# कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन

**गोंय विश्वविद्यालय कोंकणी विभाग पी.एच.डी. पदवे खातीर भेटयल्लो प्रबंध**

**2011**


**सोदवावर करपी**

राखी विष्णू आमोणकार

ऍम.ए.,बी.ऍड.

**मार्गदर्शक**

डॉ. चंद्रलेखा डि' सौजा,

कोंकणी विभाग,

गोंय विश्वविद्यालय,



**गोंय विश्वविद्यालय, ताळगांव पठार, गोंय - 403 206**

# DECLARATION

As required under the Goa University Ordinance OB 9.9 (ii), I, ***Rakhi V. Amonkar***, hereby declare that the thesis titled ***कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन*** is the outcome of my own research undertaken under the supervision of Dr. (Mrs.) Chandralekha D' Souza, Reader in Konkani and Head, Department of Konkani, Goa University, in an attempt to find new insights into the chosen area of study. All the bibliographic, critical and biographical sources used in the course of this work have been duly acknowledged in the thesis. This work has not previously formed the basis of any award of Degree, Diploma, Associateship, Fellowship or other similar titles to me.

**Rakhi V. Amonkar**

Date :

# दाखलो

गोंय विश्वविद्यालयाच्या कोंकणी विभागांतल्यान, पी. एच. डी. पदवे खातीर राखी विष्णू आमोणकारान सादर केल्लो **कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन** हो सोद प्रबंध म्हज्या मार्गदर्शनाखाला पुराय केला हें हांव हांगा प्रमाणीत करतां.

हो वावर ताणें ह्या वा दुस-या कोणें केन्नाच खंयच्याय विश्वविद्यालयाच्या पदवे खातीर वा दाखलो परिक्षेंत सादर करुंक ना हेंय हांव हांगा प्रमाणीत करतां.

**डॉ. चंद्रलेखा डि' सौजा**

मार्गदर्शक,

कोंकणी विभाग

गोंय विश्वविद्यालय

थळ - गोंय विश्वविद्यालय

ताळगांव - पाठार

तारीख –

# जाहिरनामो

हांव राखी विष्णू आमोणकार स्पश्ट करतां की गोंय विश्वविद्यालयाच्या कोंकणी विभागांतल्यान, पी. एच. डी पदवे खातीर सादर केल्लो, **कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन** हो सोद प्रबंध म्हज्या अध्ययनाचें फळ आसा. तशेंच गोंय विश्वविद्यालयाच्या कोंकणी विभागाच्यो मुखेली डॉ. चंद्रलेखा डि' सौजा हांच्या मोलादीक मार्गदर्शनाखाला तो हांवें पुराय केला.

हो वावर हे आदीं हांवें ह्या वा दुस-या खंयच्याय विश्वविद्यालयाच्या पदवे खातीर, दाखलो परिक्षे पासत सादर करुंक ना म्हणपाचेंय हांव हांगा स्पश्ट करतां.

**राखी विष्णू आमोणकार**

थळ - गोंय विश्वविद्यालय

ताळगांव - पाठार

तारीख –

# प्रस्तावना

निबंध ह्या साहित्य प्रकाराची आवड सुरवातेसावन आसली, म्हण कोंकणीचो अभ्यास करतना निबंध साहित्य प्रकाराचेर सोदवावर करपाचें थारायलें. तेच तरेन समाजांत चलतल्या चालंत घडणूकां विशीं खोलायेन जाणून घेवपाची उमळशीक आशिल्ल्यान हो विशय घेतलो. हो सोद वावर करपाचें थारायलें पूण हो सोद कसो करपाचो हाचेर पयलीं म्हज्या मनांत सोदवावराच्या नदरेन केन्नाच विचार जालो ना. पूण एम. ऐ. शिकतना हांवें रवींन्द्रबाब हांचें ‘‘ओथांबे’’ हें पुस्तक वाचलें तेन्नाच्यान मनांत अशे तरेची हुळहुळ जावपाक लागली. त्या पुस्कांतल्यान म्हाका कितें तरी करपाक जाय अशें दिसतालें पूण कितें करप तें समजनासलें. हो प्रस्न हांवें डॉ. चंद्रलेखा आनी डॉ. माधवी मॅडमीक विचारलो आनी तांचे कडेन उलवप जाल्या उपरांत म्हजो पीएच. डी करपाचो विशय निश्चित जालो. निबंध लेखनाचेर कोंकणी देवनागरी लिपयेंत फावो तितलो सोदवावर जावंक ना. तेखातीर हांवें कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन ह्या विशयाचेर सोद वावर करपाचें थारायलें.

कोंकणी निबंध विधा हालीं हालीं आपली उदरगत करपाक लागल्या. तेच खातीर कोंकणी साहित्याचो आनी कोंकणी देवनागरीचो संशोधनात्मकतायेचो पांवडो उंचावंक आदार जावंचो हे खातीर हो सोद वावर करपाचें थरायलें. ह्या सोदवावरांत आसपावन घेतिल्ल्या लेखकांनी कोंकणी समाजाखातीर जायतीं कामां केल्ल्याचें कोंकणी भाशेची उदरगीची चळवळ पळयल्यार लक्षांत आयले बगर रावना. तातूंतलेच कांय लेखक म्हणल्यार रवीन्द्र केळेकार, पांडुरंग भांगी, दत्ता दामोदर नायक, मुकेश थळी. ह्या लेखकांनी कोंकणी साहित्याक आपल्या सृजनात्मक लेखन कलेंतल्यान गिरेस्त केला. कोंकणी चळवळींत कोंकणी भाशेखातीर खुबशे लेखक वावुरल्यात. हे खातीर आयज कोंकणीक मानाची सुवात फावो जाल्या.

लेखक समाजांत वावूरतात ते खातीर ते समाजाचे घटक जातात आनी फूडें ह्याच समाजाचें पडबिंब लेखकांच्या साहित्यांत दिसून येता. लेखकांच्या निबंधांत लेखकांनी आपल्या जिणेंत घेतिल्लो अणभव झळकता. लेखकांच्या साहित्यांतल्यान रवीन्द्र केळेकारांचीं- सांगाती, ओथांबे (चिंतनां), वेळे वयल्यो घुलो, पांडुरंग भांगींचें- उतरांचो संवसार, दत्ता दामोदर नायकाचें- जाय काय जूय (ललीत गद्य), मुकेश थळीचें-

वळेसर (ललित लघुनिबंद संग्रह) ह्या पुस्तकांचो आस्पाव समाजीक नदरेंतल्यान संशोधन करचे खातीर केला.

"कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन" ह्या प्रबंधांत पांच अध्याय आसात.

सगळ्यांत पयलीं हांव ज्या समाजांत रावतां वा वावूरतां त्या समाजा विशीं जाणून घेवपाचो यत्न केला. ते नदरेंतल्यान समाजशास्त्राचें सैद्धांतीक विवेचन ह्या अध्यायांत केलां. समाजाची शास्त्रीय नदरेंतल्यान समजणी मेळपाक जाय हे खातीर समाजशास्त्राचो अर्थ आनी परिभाशांच्या फांट्यांचेर भासाभास केल्या. फुडें समाजशास्त्र इतिहास आनी विकासाचेर विचार केला. दर एका समाजाक थारावीक उद्देश आसतात. देखून ते समजून घेवचे खातीर समाजशास्त्राचो उद्देश, उपयोग आनी महत्व हांचेर विचार केला. समाज एकस्वरूप केन्नाच आसना. ताचो हेर विज्ञानां कडेन संबंध आसता. तेखातीर समाजशास्त्राचो हेर विज्ञानांकडेन संबंध कसो येता हाचो नियाळ घेतला. समाज म्हणटकच तातूंत संस्कृतीचो आसपाव आसता. ते नदरेंतल्यान समाज आनी संस्कृतीचो विचार केला. संस्कृती आनी सभ्यताय, संस्कृती आनी कला साहित्य संबंधांतल्यान साहित्य आनी समाजाचो परस्पर संबंध दाखोवपाचो यत्न केला.

खंयच्याय साहित्य प्रकाराचें विवेचन करतना त्या प्रकाराचें शास्त्रीय ज्ञान आसप गरजेचें. ते नदरेंतल्यान दुस-या अध्यायांत निबंधाचें तात्वीक विवेचन, निबंध - अर्थ, परिभाशा आनी महत्व, निबंधाचो इतिहास आनी गोंयच्या कोंकणी निबंधाच्या प्रवासाचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला. उपरांत निबंधाचीं तत्वां आनी खाशेलपणांचेर विचार केला आनी निबंधाक उदरगतीचे तेंगशेर व्हरपी दिसाळीं आनी नेमाळ्यांचेर भासाभास केला.

तिस-या अध्यायांत गोंयचो समाज, गोंयची समाजीक परिस्थिती, गोंयचो सैम कोंकणी निबंधांत कशे तरेन आसा तें दाखयलां. पूर्तुगेजांनी गोंयांत साडेचारशीं वर्सां राज्य केलें. ह्या कालखंडांत गोंयकारांनी पूर्तुगेजांचे त्रास कशे तरेन सोंसले, फिरंग्यांचे राजवटी आदली आक्रमण जावचें पयलीं आनी जाल्या उपरांतची समाजीक परिस्थिती दाखयल्या. गोंयांत कितले राज्यकर्ते आयले तें दाखयलां. तातूंत फिरंग्यांनी केल्ल्या अत्याचारांचेर भासाभास करून फिरंगी आयले उपरांत गोंयाक कसले कायदे लागू जाले तें सांगलां.

गोंयच्या लोकां विशीं, तांच्या जातीं विशीं सण परबां विशीं भासाभास केल्या. तातूंत कोंकणी संस्कृतीचें खाशेलपण सांगलां. गोंयांत राजकी परिस्थिती कितें आशिल्ली आनी कितें जाली ताचेर विचार केला.

चवथ्या अध्यायांत निबंधाचो नियाळ घेतला. सोदवावराक घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांची समाजीक निबंध, सैमीक निबंध, सांस्कृतीक निबंध, इतिहासीक निबंध, राजकी निबंध, भाशेविशीं निबंध, वर्णनात्मक निबंध, संस्मरणात्मक निबंध, भावनीक निबंध, कले विशीं निबंध आनी समीक्षात्मक निबंध अशे तरेन विभागणी केल्या. निबंध कृतींचें समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान वेगवेगळ्या निबंध प्रकारांचें विवेचन केलां.

पांचव्या अध्यायांत समाजशास्त्रीय निबंधाची भाशा, शैली आनी शिल्प, तेच तरेन हेर भाशांचो प्रभाव दाखोवन दिला. ह्या सगळ्यांचो अर्थ, परिभाशा आनी प्रभाव तेच तरेन प्रतीक- अर्थ, परिभाशा, बिम्ब- अर्थ, परिभाशा आनी प्रभाव हांचेर भसाभास केल्या आनी तांच्यो देखी दिल्यात. शेवटाक निश्कर्श काडटना सोद वावरा खातीर घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांचेर समाजशास्त्राचो प्रभाव आनी योगदान हाचेर भसाभास केल्या. तातूंत सोदवावराक घेतिल्ल्या निबंध साहित्याचो आनी समाजाचो कितलो संबंध आसा, तेच तरेन ताचो कितलो प्रभाव आसा ताचेर भासाभास केल्या. प्रबंधाच्या शेवटाक सोदवावरा खातीर वापरिल्ल्या पुस्तकांची आनी संदर्भ ग्रंथांची संदर्भ सूची दिल्या.

# उपकार

**कोंकणी निबंध लेखनः समाजशास्त्रीय अध्ययन** हो म्हजो संशोधनाचो विशय. कोंकणी ही अशी भास जी संशोशधनाच्या मळार आतांच आपलीं पांखां उक्तीं  करून उडपाचो यत्न करता. ह्याच यत्नांत थोडी भोव तरी भर घालून कोंकणी भाशेचीं पांखां हांवें उक्तीं करून उंच उडपाचो यत्न केला. हीं पांखां उक्तीं करून कोंकणीक उदरगतीच्या तेंगशेर व्हरपाक हांवें इल्लो तरी हातभार लायलो म्हण आयज मनांतल्या मनांत हांव सुखावतां आनी खोशी जातां. ह्या सुखावपांत म्हजें एकल्याचें श्रेय ना. ह्या संशोधनात्मक वाटचालींत जायत्या जाणांनी कळत नकळत म्हाका आदार केला तांकां हांव कशें विसरूं? खरें तर हें सगळें श्रेय त्या मनशांचें जांणीं म्हाका संशोधन करपाक सदांच स्फूर्त दिल्या. तेच तरेन जेन्ना जेन्ना हांव निराश जालां तेन्ना मार्गदर्शन करून मनाक थाकाय दिल्या.

विद्यापीठ अनुदान आयोगाची शिश्यवृत्ती म्हाका फावो जाली. ह्या शिश्यवृत्तीन म्हज्या प्रबंधाक अर्थीक फाटबळ दिल्लेखातीर तांकां हांव देव बरें करूं म्हण्टां. म्हजें महाविद्यालय श्रीमती पार्वतीबाई चौगुले कॉलेज ऑफ आर्टस् एँड सायन्स जंय हांवें पयले फावट पयल्या वर्सा सावन कोंकणी शिकपाची वाटचाल सुरू केली. पूण कोंकणी शिकपाचें पयलें बीं म्हज्यांत पेरलें तें कोंकणी विभागाचे मुखेली म्हजे अध्यापक डॉ. गुणाजी संदानंद देसाय हांणी. तांच्या उपरांत म्हज्यांत आत्मविशवास निर्माण करून कोंकणी भाशे विशीं आपुलकी दाखोवपी अध्यापक हनुमंत चोपडेकार. म्हज्या संशोधना विशीं उमळशीकेन चौकशी करपी भौ. रवीन्द्र केळेकार आनी तांचो आशिर्वाद. डॉ जयवंतराव सरदेसाय जांणी सदांच म्हज्या संशोधना विशीं वासपूस करून म्हाका तांच्या अणभवा प्रमाण सुचोवण्यो केल्यो. डॉ. माधवी सरदेसाय, भौ. राजू नायक, भाशा विभागाचे डीन प्रो. डॉ. श्रीपाद भट, डॉ. इशरत खान, डॉ. बी. के. शर्मा 'रोहीताश्व,' डॉ. तानाजी हळर्णकार, डॉ. राफायल फेर्नांडीस, डॉ. वासूदेव सावंत, डॉ. सु. म. तडकोडकार, श्रीमती प्रियदर्शनी तडकोडकार, अध्यापक प्रकाश पर्येकार हांणी म्हाका वेळाकाळापरमाणें मार्गदर्शन केलें. कोंकणी विभागाच्या कार्यालयांतल्या कर्मचा-यांचेय हांव उपकार मानतां. सगळ्यांत खेरीतपणी उपकार मानूंक जाय ते म्हणल्यार म्हजी भयण सौ. शुभांगी गुणाजी देसाय हिचे. जिणे म्हाका प्रत्येक वेळार मानसीक फाटबळ

दिलें. ह्या तांच्या आदाराक हांव केन्नाच विसरचेंना. खरें तर म्हजो प्रबंध बेगीन पुराय जांवचो म्हण तिची सदांच म्हज्या फाटल्यान हुरहुर लागिल्ली आसताली. तिका हांव मनां काळजासावन देव बरें करूं म्हणटां. डॉ. रवीन्द्र मिश्रा, डॉ. वृषाली मांद्रेकार, डॉ. हरिश्चंद्र नागवेंकार, डॉ. लता शिरोडकार, डॉ. ज्योती पवार, अध्यापक राजय पवार हांणी दिल्ले उर्बे खातीर हांव तांकां देव बरें करूं म्हणटां. म्हजे इश्ट आनी इश्टीणी प्रकाश नाईक, श्रीमती ज्योती देसाय हांकांय हांव दिनवासतां. तेच तरेन गोंय विश्वविद्यालयाचें वाचप घर, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांवचें हिन्दी वाचप घर, गोमंत विद्या निकेतन, संस्कृत प्रचारीणी वाचप घर ह्या संस्थांतल्या कर्मचा-यांचेय हांव उपकार आठयतां.

म्हज्या संशोधनात्मक वावराक आपलो मोलादीक वेळ दिवन मार्गदर्शन करपी म्हजी मोगाळ मॅडम डॉ. चंद्रलेखा डी सौजा हांकां हांव मनाकाळजासावन देव बरें करूं म्हणटां.

म्हजो बापूय सर्गेस्त विष्णू अर्जून आमोणकार, आपली चली ऊच्च शिक्षीत जावची म्हण ताची खर इत्सा आसली, ते खातीर मनांतल्यान ताचो उगडास करतां. आवयच्या आशिर्वादा खातीर हो सोदवावर पुराय जावपाक पावलो. श्रीमती यशोधा विष्णू आमोणकार आनी भाव विराज विष्णू आमोणकार हांकां सगळ्यांक देव बरें करूं म्हणटां. कोणी चुकल्यात जाल्यार व्हड मनान म्हाका माफ करतले अशें आंवडेतां. शेवटाक सगळ्यांची हांव मनापसून कृतज्ञताय उकतायतां.

**राखी विष्णू आमोणकार**

# अनुक्रमाणिका


अध्याय १. समाजशास्त्राचें सैद्धांतीक विवेचन १-७०

अध्याय २. निबंधाचें तात्वीक विवेचन ७१-११८

अध्याय ३. गोंयच्या कोंकणी निबंध साहित्य युगाचो परिवेश ११९-१८८

अध्याय ४. निबंध कृतींचें समाजशास्त्रीय विवेचन १८९-२२३

अध्याय ५. समाजशास्त्रीय निबंधांची भाशा, शैली आनी शिल्प २२४-२६८

अध्याय ६. समारोप आनी निश्कर्श २६९-२८३

आदारावळ २८४-३०२

# १. समाजशास्त्राचें सैद्धांतीक विवेचन

## विशय प्रवेश

संशोधनाक विशय घेवचे पयलीं जायते प्रस्न मनांत आसतात. पूण त्या विशयाचीं पाळां मूळां सोदून जातकच संशोधकाक समाधान जाता. हांव कोंकणींतल्या देवनागरी लिपयेंत बरयल्ल्या निबंध संग्रहांचेर सोद वावर करतां. निबंधांत वेगवेगळे तरेचीं तत्वां आसतात तें नदरेसामकार दवरून त्या निबंध संग्रहांतलीं समाजीक तत्वां सोदून संशोधनात्मक प्रबंध बरोवपाचो वावर हांवें केला.

दर एका निबंध संग्रहाचेर समाजीक नदरेंतल्यान सोद वावर करूंक सोदपा फाटलें कारण म्हणल्यार कोंकणी देवनागरी लिपयेंत निबंध संग्रहांचेर सोद वावर आयज मेरेन कोणेंच करूंक ना. कोंकणी साहित्यांत समाजीक विचार आयल्यात पूण ताचेर संशोधानात्मक बरप कोणेंच केल्लें पळोवंक मेळना. हांवें कांय ठरावीक लेखकांचें साहित्य कित्याक घेतलें असो प्रस्न मुखार येवं येता. म्हाका दिसता त्या लेखकांच्या साहित्यकृतींत प्रगतिशील समाजीक तत्वां आसात जीं समाजाक बेस बरे तरेन मार्गदर्शन करूंक शकतात. हे लेखक समाजांत चलतल्या घडणूकांची वाचप्यांक जाणीव करून दितात. नवोदीत बरोवप्यां मदें समाजाची जाणवीकाय निर्माण जाता. म्हूण म्हाका हो विशय चड भावलो. कांय प्रमाणांत तांचेर समिक्षात्मक बरप वेगवेगळ्या अंकांनी उजवाडाक येता. तें फक्त समिक्षात्मक हेतून बरयल्लें आसता. त्या नदरेन संशोधक म्हूण संशोधनात्मक प्रबंध बरोवप आनी ह्या संग्रहांतलीं  समाजीक तत्वां सोदप हें हांव करपाक सोदतां. हे निबंध संग्रह वाचल्या उपरांत तातूंतले सगळे प्रसंग बारीक नदरेन पळयले जाल्यार अशें दिसता, हे अणभव समाजीक अणभव, कित्याक तर लेखक हे समाजांत वावुरपी मनीस, समाजांत वायटब-यो घडणूको घडटात ताची सुलूस घेवन ते आपलें बरप करतात. समाजांतल्या प्रत्येक गजाली कडेन बारीकसाणेन पळयतात. समाजांत इल्लोसो लेगीत बदल जालो जाल्यार साहित्यीकांची त्या गजालीचेर पयलीं नदर पडटा. समाजांत घडिल्ली गजाल वायट आसली जाल्यार लेगीत तातूंतल्यान बरें दाखोवपाचो यत्न ते करतात. हे उमळशीकेन ते आपलें साहित्य रचतात. लेखकान निर्मिल्लें खंयचेय साहित्य लेखकाचें आपलें केन्नाच आसना. तें पुराय समाजाचें आसता. तें समाजाच्या हिता खातीर आसता. समाजाच्या परस्पर संबंधांतल्यान लेखक आपआपलें साहित्य रचतात. ह्याच परस्पर संबंधांतल्यान लेखक परिस्थिती जाणून घेवन साहित्य रचतात. फूडें लेखक आपूण स्वता पयलीं परिस्थिती समजून घेतात आनी

उपरांत मागीर तांचें बरप करतात. ही तांच्या निजाच्या सहित्याची साधना आसता. साहित्याची उत्पत्ती ही समाजांतल्या समूहांच्या संघर्षांतल्यान निश्पन्न जाता. पूण ही निश्पत्ती जावपा खातीर लेखकाक चिंतनशिल आनी चिंतनात्मक प्रवृत्तीचें आसचें पडटा.

## १.१ समाज-अर्थ आनी परिभाशा

समाजशास्त्र समजून घेवपाक जाय जाल्यार सगळ्यांत पयलीं "समाज" उतर समजून घेवप गरजेचें थारता. सामान्य रितीन समजून घेतलें जाल्यार समाज म्हणल्यार मनशांचो समूह. इंग्लीशींत समाजाक सोसायटी म्हणटात.[१] समाजशास्त्राचो विवेचनाचो विशय आसता 'समाज'. व्यवहारीक रूपान पळयल्यार समाज उतराचो प्रयोग मनशांच्या गटाखातीर करतात. पूण अशे तरेन समाज उतराचो अर्थ वास्तवीक रूपान स्पश्ट जायना.[२] कोंकणी भाशेंत लेगीत समाज ह्या उतराचो वापर करतात. समाजशास्त्र समजून घेवचे पयलीं समाज म्हणल्यार कितें तें व्यवस्थीत समजून घेवपाक जाय. देखून समाजशास्त्राच्या पूर्ण विवेचनाच्या पयलीं 'समाज' म्हणल्यार कितें हाचेर विचार करप चड गरजेचें जाता.

ह्या संवसारांत मनीस केन्नाच एकटो रावंक शकना. सदांच ताका कोणाची तरी गरज वा वांगड जाय आसता. मनशांच्या जिणेंत एक नेम आसता. ह्या संवसारांतलो जण एक मनीस त्या नेमा प्रमाण वागता आनी रावता. एका जातीचे वा एका धर्माचे लोक सदांच एकवट करून आसतात. होच नेम जनावरांक लेगीत लागू जाता. त्या त्या जातीचीं जनावरां सदांच एकठांय रावतात. हेंच समाजाचें खाशेलेपण आसता. एकठांय रावप हो समाजाचो मूळ धर्म आशिल्ल्याचें दिसून येता. एकठांय रावप म्हणल्यार कोणी एकठांय रावप? एका विशिश्ट जातीच्या लोकांनी. तेच तरेन समाजांत कसलेंय पावल ऊखलतना लोक कितें म्हणीत हाचो जण एका मनशाक भंय आसता. होच लोक म्हणल्यार समाज. ह्या समाजांत आपली प्रतिश्टा राखून दवरपाक मनशाची सदांच धडपड आसता. त्याच समाजा विशीं जाणून घेवंया.

समाज आनी मनशांचो संबंध जायतो पोन्नो आसा. ज्या खिणाक मनशान ह्या संवसारांत जल्म घेतलो त्या खिणाक साकून मनशाचें नातें समाजाकडेन एकरूप जालें. जेन्ना जेन्ना मनशाक आपल्या जिणेंत अडचणी आयल्यो त्या वेळार त्या अडचणींचेर मात करपाक ताका समाजाची गरज भासल्या. समाजांत कर्तव्याचें पालन खूब गरजेचें आसता. समाजांतल्या प्रत्येक मनशान जर आपलें कर्तव्य पूर्ण केलें जाल्यार तांच्या

मजगतीं सद्भावाचें वातावरण उरतलें.[३] कित्याक तर मनशांच्यो सगळ्यो गरजो समाजाचेर आदारून आसतात. मनीस ह्या समाजांत कितलोय एकटो उरलो म्हटलो जाल्यार लेगीत हेर समाजांतल्या लोकांलागीं ताका संपर्क दवरचो पडटा. सगळ्या पासून अलिप्त रावल्यार ताच्या जिणेंत जायत्यो अडचणी येवं येतात. पूण समाजाचो आदार आशिल्ल्यान त्या अडचणींचेर तो मनीस मात करूंक शकता. मनशांक एकमेकांचो आदार मेळूं वा ना मेळूं पूण वेळा प्रमाण मनशाक एकमेकांक आदार दिवंचो पडटा. ते आदार दितले लोक भोंवतणच्या समाजांतले आसतात. समाज मनशांचो सभावीक समूह आसता, जातूंत परिवर्तन आनी गतिशील प्रक्रिया आसता. जे तरेन एक एक थेंब एकठांय करून तळें जाता, तेच तरेन एक एक मनीस एकठांय येवन समाज निर्माण जाता. समाजशास्त्रा प्रमाण समाज म्हणल्यार मनशांचो पूंजो.[४] वेग वेगळ्या विद्वानांनी आपले परीन समाजाविशीं ज्यो परिभाशा मांडल्यात त्यो पयलीं समजून घेवंया.

विद्याभूषण आनी डी. आर. सचदेव हे समाजाक मनशांचो पुंजो मानीनासतना ते समाज अमूर्त आसा अशें मानतात. समाज वस्तुंच्या आपेक्षां प्रक्रियां प्रमाण आसता. संरचनांच्या अपेक्षीत गती प्रमाण आसता. समाजाच्या महत्वपूर्ण तत्वा संबंधीची एक वेवस्था आसता. शेवटाक क्रियेंतल्यान मनशाचें प्रतिमान निर्माण जाता. जातूंतल्यान समाजांतले मनीस बाकीच्या मनशां बरोबर आपूण रावतात.[५] एरिस्ट्टोल च्या मत्ता प्रमाण, मनीस एक समाजीक प्राणी आसा. कित्याक तर तो समाजा बगर आपली जीण सारूंक शकना.[६] इंग्लीश भाशेंत ताका कंपनी, एसोसिएशन, कलेक्शन, असेंबली, कांग्रेगेशन, मीटींग विथ आनी कांग्रेस अशे शब्द वापरतात.[७] जार्ज सिमेलच्या मत्ता प्रमाण, समाज त्या व्यक्तिंचो पूंजो आसा जे तांचे भितरले आंतर क्रियेक लागून एकामेकाकडेन संबंधीत आसतात.[८] वेबस्टरच्या डिक्शनरीप्रमाण समाजाची परिभाशा अशे तरेन दिल्या.[९] म्हणल्यार समाज समान धेयांच्या कारणा खातीर लोकांचो एक संगठीत समूह आसा. जो समान उद्दीश्ट, विश्वास, व्यवसायाच्या पुर्तताये खातीर एकामेका बरोबर रावता आनी काम करता.[१०] गिडिंग्स च्या मत्ता प्रमाण "समाज स्वता एक संगठन आसा, जातूंत सहयोग दिवपी व्यक्तिंचो एक समाजीक घटक आशिल्ल्यान तांचो एकामेकांकडेन संबंध आसता."[११] कार्ल मार्क्स प्रमाण व्यक्ती एक समाजीक प्राणी आसा. ताची जीण समुदायीक जिणेच्या रूपांतल्यान प्रकट जांवक नासली, तरी पूण ती समाजीक जिणेची अभिव्यक्ती आनी पुश्टी आसता.[१२] कांय जाण समाजाक मनशांचो पूंजो मानतात. हेनकीन्स च्या मत्ता प्रमाण आमी आमच्या प्रयोजना खातीर समाजाची परिभाषा अशे तरेन करतात. दादले, बायलो वा भुरग्यांचो खंयचोय स्थायी वा अस्थायी पूंजो आसता. जो आपल्या सांस्कृतीक स्तरार स्वतंत्र रूपांतल्यान

प्रजातिच्या उत्पत्ती वा पालन -पोषणाची प्रक्रिया.[१३] [१४] रियूटर प्रमाण हैंडबुक ऑफ सोशियोलॉजी, जे तरेन जीण एक वस्तु नासता, पूण जिणेंत रावता ही प्रक्रिया आसा, तेच तरेन समाज एक वस्तु नासून संबंध स्थापीत करपाची एक प्रक्रिया करीत आसता.[१५],[१६] राइट च्या मत्ता प्रमाण[१७] मनशाच्या पूंज्याक समाज म्हणनात. ज्या मनशांचो समाजाकडेन संबंध वेगळो वा वागणूक वेगळी आसता तो समाजाकडल्यान पयसावल्लो आसता. गिडिंग्स च्या मत्ता प्रमाण समाज स्वता एक संघ आसता, एक संगठन आसता, औपचारीक सम्बधांचो योग आसता.[१८] समाज म्हणल्यार समाजीक जिवनाची निरंतर वा नियमानुसार केल्ली व्यवस्था, जाची निर्मणी मनीस एकामेकाच्या हित वा सुरक्षेच्या निमतान कळत न कळत करता. परिभाशांच्या नदरेंतल्यान पळयल्यार समाज मनशांच्या एकवटांतल्यान जायना. समाजा खातीर शारिरीक आनी मानसीक दोनूय प्रकार सामके गरजेचे आसतात. तांच्या सहयोगांतल्यान सभ्य समाजाची निर्मणी जांवंक शकता.[१९] साधारण उलोवपांत समाजाचो अर्थ "मनशांचो गट" समाजशास्त्रांत समाजाचो अर्थ समाजीक संबंधांचें जाळें [२०] अशें दिसून येता.[२१]

समाजीक संबंध अमूर्त आनी अदृश्य आसतात. मागीर समाज अमूर्त आसता, तो अनुभवांचो विशय जाता.[२२] समाजीक हो शब्द (Collective aspect of humanity) ह्या अर्थान लेगीत वापरूं येता. तर ह्या नदरेंतल्यान ताका समाजीक अडचण लेगीत म्हणूं येता. जे खातीर समाजां तल्या परिवर्तनाच्या कारणा खातीर असंमत स्थिती निर्माण जाता.[२३]

## समाजाचे प्रकार

समाजाचे प्रकार वेगवेगळ्या समाजशास्त्राज्ञांनी केल्यात. ह्याच आधाराचेर तांणी समाजाचें वर्गीकरण केलां. विश्व प्रसिध्द समाजशास्त्री हरबर्ट स्पेन्सर हांणी समाजाचे चार प्रकार केल्यात.

**सरळ समाज - Simple Societies**

**किचकटीचो समाज -Compound Societies**

**दोट्टी किचकटीचो समाज - Double Compound Societies**

**तिसरो किचकटीचो समाज - Triple Compound Societies**.

स्पेन्सर प्रमाण विशुद्ध  वर्गीकरणाच्या प्रकाराचे समाज मेळूंक नात, आनी जायते फावटी विशिष्ट समाज एकापरस चड समाजांत आसपावपाक शकतात. तिस-या जटिल समाजांत प्राचीन मैक्सिको, असीरियन सम्राज्य, रोमन सम्राज्य, ब्रिटेन, फ्रांस, इटली, जर्मनी आदि समाजांत दिसून येतात.[२४] समाज ह्या आयामांचो अभ्यास केल्या उपरांत समाज म्हणल्यार अशे तरेचो समूह जंय एक धेय, एक संस्कृती घेवन वावूरतले लोक एकठांय रावतात त्या पंगडाक समूह म्हणूं येता. ह्या सगळ्या विवेचनावेल्यान आमकां समाज म्हणल्यार कितें तें पळयलें.

आतां समाजाचें खाशेलपण कितें तें समजून घेवंया.

मैकाईवर आनी पेज हांणी आपल्यां Society ह्या पुस्तकांत हीं खाशेलपणां मांडल्यांत.

समाज अर्मूत आसा, समाजांत सारखेपण आनी वेगळेपण आसा, समाज जागरूतायेचेर आधारून आसा.

समाज एकामेकांचेर आधारून आसा, समाजांत सहयोग आनी संघर्श आसता.

समाज फक्त मनशां पुरतोच आसना. (Society is not confined to human beings)[२५]

समाज उतराचें विवेचन जाल्या उपरांत 'शास्त्र' म्हणल्यार कितें तें समजून घेवंया. 'शास्त्र' आनी 'विज्ञान' हातूंत कांय फरक आसात. कित्याक तर Science ह्या इंगलीश उतराचो अनुवाद केलो जाल्यार 'शास्त्र' वा 'विज्ञान' असो जाता. ह्या समानअर्थी उतरांत फरक करतना जर चिकित्सक नदरेन विचार केलो जाल्यार ह्या दोनय उतरांत फरक आसा हें दिसून येता. शास्त्र ह्या संस्कृत धातूचो अर्थ नेम करून, व्यवस्था करून जें त्या ज्ञानाची व्यवस्थित रचना करतात ताका शास्त्र म्हणटात. तो विशय मागीर खंयचोय आसूं येता. मागीर तो आकाशांतल्या ग्रहांचो अभ्यास आसूं वा समाजविशयक अध्ययन आसूं. ज्ञान जर वेवस्थीत आसत जाल्यार ताका 'शास्त्र' म्हणटात.

देखून  स्ट्युअर्ट चेस प्रमाण "अध्ययनाच्या आशयापरस अध्ययन पद्धती खातीर शास्त्र गरजेचें थारता."[२६] कार्ल पियर्सन प्रमाण ज्ञान प्राप्तीखातीर वापरांत आशिल्ले खाशेले संशोधन पद्धती खातीर शास्त्र प्राप्त

जाता.[२७] डॉ रा. भा. पाटणकर हांच्या मत्ता प्रमाण खंयचाय विशयाच्या व्यवस्थित वा तर्कशुद्ध अभ्यासाक आमी शास्त्र म्हणटात[२८] पूण सगळीं शास्त्रां विज्ञान आसताच अशें ना. संवसारांत प्रत्यक्ष घडटल्या गजालिंचें अध्ययन जीं शास्त्रां करतात त्या शास्त्रांक विज्ञान म्हणूं येता. हीं शास्त्रां अनुभवजन्य ज्ञानाच्या शोधांत आसतात वा तें मेळोवपाक खाशेल्या पद्धतींचो वापर करतात.[२९] ग्रीन च्या मत्ता प्रमाण विज्ञान सोद वावराची एक पद्धती आसा[३०] तर व्हायट च्या मत्ता प्रमाण विज्ञानी वैज्ञानीकरण आसा.[३१],[३२] वेनबर्ग आनी शेबेत हांचे प्रमाण[३३], [३४]ते नदरेन भौतिक विज्ञान Physics हें शास्त्र आसून लेगीत विज्ञान आसा. जाल्यार तर्कशास्त्राक आमी विज्ञान म्हणूंक शकनात. भौतिक विज्ञान, जीवशास्त्र, समाजशास्त्र, अर्थशास्त्र आनी मानसशास्त्र हीं सगळीं शास्त्रां अणभवांतल्यान निर्माण जाल्लीं आसात देखून ह्या सगळ्यांचो समावेश विज्ञानांत करुं येता. अणभवांच्या निश्कर्शांचेर ह्या शास्त्रांचो निश्कर्श पळयतात. ह्या विश्लेशणावेल्यान स्पश्ट जाता की अध्ययन अडचणेचें आसूं वा घटनेचें आसूं, ताचें अध्ययन खंयच्याय पद्धतीन करूं येता. हेंच ताचें खरें महत्व. कार्ल पियर्सन प्रमाण सगळ्या शास्त्राचें सारखेपण तांच्या फक्त अध्ययन पद्धतींत आसता, अध्ययन विशयांत नासता.[३५] म्हज्या मता प्रमाण शास्त्र म्हणल्यार अशें खंयच्या गजालिचें अध्ययन करपाक जें तंत्र वापरता वा जी पद्धत वापरता ताका शास्त्र म्हणूं येता. शास्त्र समजून घेतकच आनी शास्त्रांच्या पुराय संकल्पनेचो अर्थ लक्षांत घेतकच शास्त्रांच्या शाखांचो विचार करपाक जाय. शास्त्र ह्या उतराचो अर्थ समजून घेतल्या उपरांत शास्त्राचें प्रकार समजून घेवंया.

## १.२ समाज शास्त्राचो - अर्थ, परिभाशा आनी इतिहास

शास्त्राचे दोन प्रकार आसात.

१. सैमीक-निसर्गीक शास्त्र

२. समाजीक शास्त्र

### १. सैमीक-निसर्गीक शास्त्र

अध्ययनाचो संबंध मनशांच्या इच्छा-आकांक्षांकडेन नासता. मनशांच्या सृष्टींत वा मनशांच्या सरभोंवतणी घडटल्या गजालींचें विश्लेषण सैमीक शास्त्रांत करतात. प्राणवायु तयार करप, सरपट्या किड्यांचें अध्ययन करप, पदार्थविज्ञान, रसायनशास्त्र, वनस्पतीशास्त्र, प्राणीशास्त्र ह्या शास्त्रांचें अध्ययन हातूंत जाता.[३६]

**२. समाजीक शास्त्र** अध्ययनाचो संबंध मनशांच्या इच्छा-आकांक्षांकडेन आसता. मनशांच्या जिणेंतल्या वा व्यव्हारांतल्या घटनांचें अध्ययन हातूंत जाता. म्हणून मनीस समाजप्रिय मोनजात. एकाद्या बेटासारखो तो वेगळो रावंक शकना. मनशांच्या इच्छा-आकांक्षाचे परिणाम परस्पर संबंध आनी आंतरक्रियांचें स्वरूप, परिणाम विवेचन केल्या उपरांत मनशांच्या वागणूकेचे सामान्य नेम प्रतिपादन करपाचे यत्न समाजीक शास्त्रांत जातात.[३७]

## समाजशास्त्राचें स्वरूप

समाजशास्त्राची अध्ययनाची शिक्षणीक वेवस्था सुमार १५० वर्सां आदीं सुरू जाली. ताका लोकांची मान्यताय मेळून समाजशास्त्रज्ञांनी समाजाची व्यवस्था १९६० वर्सा केली. तातूंत वेगवेगळ्या नेमाळ्यांनी समाजीक शोध वावराचे अहवाल उजवाडाक हाडटाले.[३८] समाजशास्त्र हें समाज ह्या मानवी पुंजुल्याचें शास्त्रीय अध्ययन करपी शास्त्र. समाजांतल्या घटकांच्या परस्परसंबंधांच्या वेव्हारांची चिकित्सा, विश्लेशण, अनुमान, कारणां, परिणाम हांचो आसपाव ह्या अध्ययनांत जाता.[३९] समाजशास्त्र समाजीक संस्था वा समाजीक संबंधाचें शास्त्र वा विज्ञान आसा. समाजशास्त्र अशे विद्येचें नांव आसा जी सदांच तटस्थ रावन, कांय समाजाच्या संदर्भांत खंयच्याय संस्थांचे विशेशतायेचें वैज्ञानीक विवेचन- विश्लेशण करता.[४०] ते पासत समाजशास्त्री अशें मानतात की परस्पर आदान-प्रदानांतल्यान मनशांच्या मानवीय गूणांचो विकास जाता. पूण मनशाच्या सगळ्या क्रियांचें अध्ययन समाजीक रितीन करूं येता. ह्या तर्कावयल्यान कळटा की मनशाच्या प्रत्येक वेव्हाराचें आनी ताच्या शोधाचें मूल्य समाज-सापेक्ष आसता. तातूंतल्यान समाजशास्त्राच्या मानव-मूल्यांक समाजीक मूल्यांच्या रूपान परिभाशीत करतात.[४१] समाजशास्त्र म्हणल्यार वैज्ञानिक पद्धती. अध्ययन करपाक शास्त्र हें समाजशास्त्र आसा अशी सर्वसाधारणपणान समाजशास्त्राची व्याख्या करतात. समाजशास्त्राचें पद्धतशीर अध्ययन हो समाजशास्त्राचो विशय. पूण समाज एकाच प्रकारचो आसना. सजीव प्राणी समाज घडयतात. म्हणून तर ह्या संवसारांत मानव समाजाबरोबर मोनजाती, सुकणीं आनी किड-मुयो ह्या प्राण्यांचो लेगीत समाज आसता. पूण ह्या समाजांतल्यान फक्त मनीस समाजाचें अध्ययन समाजशास्त्र करता. हेर मोनजातीच्या समाजाचें अध्ययन करपाक वेगळीं शास्त्रां आसात. देखीक: मोनजातीचें समाजशास्त्र विशेश करुन चिंपांझी, गोरीला ह्या मोनजातींची जीण आनी समाजरचनेचें अध्ययन करता. ख-या अर्थान मानव समाजशास्त्र म्हणल्यार अशें म्हणटात. पूण सगळ्या समाजांतल्या मानीस समाजान

वैशिष्टयपूर्ण प्रगती केल्या आनी त्याच समाजाचें व्हडा प्रमाणार अध्ययन चालू आसा. देखून "समाजशास्त्र" हो शब्द फक्त मानीस समाजाच्या अध्ययनाक लायतात आनी त्याच अर्थांतल्यान तो वापरतात. मनीस समाजाचें वेवस्थीत अध्ययन जर समाजशास्त्रांत अभिप्रेत आसा तर त्या समाजाचें महत्व कित्यांत आसा हो प्रस्न सहजपणान उप्रासता. तशें पळयल्यार मनीस ही मोनजातिंतल्या संसधींतली वयल्या पांवड्या वयली मोनजात. मनशामदीं आनी माकडा मदीं बरेंच साम्य आसा. म्हणून मनीस हो पूर्वपुरातन (Primates) प्रकारांत मोडटा. मनीस हो हेर मोनजातीं परस वेगळ्या धर्तीची अव्दितीय मोनजात आसा. तांच्यांत, बुद्धिमत्ता आनी समाजीकता ह्यो सगळ्यो गजाली आसतात. फक्त संस्कृतीखातीर मनीस बाकिच्या मोनजातींच्या मानान चड प्रगल्भ जाल्लो आसा.[४२] समाजशास्त्राक विज्ञान मानपा फाटल्यान एक तर्क आसा. समाजशास्त्रांत विज्ञानीक पद्धतिचो प्रयोग करतात, जशें विज्ञानांत प्रयोगशाळ आसता आनी वेगवेगळ्यो वैज्ञानीक पद्धती घेवन प्रयोग करून निश्कर्श प्राप्त करतात. तशेंच समाजशास्त्रांत प्रस्नावळ, मुलाखत, बारीकसाणेन पळोवप आनी जिवीत इतीहास ह्या पद्धतींचो प्रयोग करून निश्कर्श काडटात. शेवटाक ह्या सगळ्यांचें अध्ययन करून अशें म्हणूं येता की समाजशास्त्र वैज्ञानीक पद्धतीच्या प्रयोगाचें विज्ञान आसा.[४३] संस्कृताये खातीर मनशाच्या जिणेक वेगळो अर्थ आयला. नाजाल्यार ताका फक्त मोनजात म्हण समजता आसले. संस्कृताये खातीर मनशाक न्हय तर मनीस समजाक लेगीत चडांत चड महत्वाचें अशें खाशेलेंपण प्राप्त जालां. मनीस समजाच्या अध्ययनांत ताच्या संस्कृतायेच्या अध्ययनांत आसपाव करतात.

समाजांतल्या एका आंगाचें सगळे ज्ञान प्राप्त करुन ताच्या समजाची संस्कृती समजून घेवप गरजेचें . मनीस मोनजात म्हण फक्त जीवशास्त्रीय विवेचनावयल्यान समाजाच्या वेगळवेगळ्या आंगांचें योग्य आकलन जवंचेंना. एखाद्र्या समाजांतल्या कुटुंबसंस्थेची खरी कल्पना फक्त जीवशास्त्राच्या अध्ययनाच्या आदारान येवची ना. ते खातीर त्या समाजांतल्या संस्कृतायेक विचारांत हाडपाक जाय. कित्याक तर कुटुंब संस्थेतलें लग्न आनी अधिकार ही सगळी कल्पना संस्कृती थारावन दिता. कुटुंबांतलो फरक संस्कृतीचेर आधारुन आसता. देखून कुटुंबांत आनी समाजांत आमकां फरक दिसून येता. ते खातीर समाजांत राजकी, अर्थीक आनी धर्मीक घटक आमकां दिसून येतात. म्हण अर्थशास्त्रांत, राज्यशास्त्रांत आनी धर्मशास्त्रांत जो बदल दिसून येता तो संस्कृती खातीर. वेगवेगळ्या समाजांत संस्कृती खातीर बदल जायत आसतात. पूण मानव समाजाचें अध्ययन करपाक समाज संस्कृतीचें अध्ययन करपाक जाय. समाजशास्त्रांत मानव समाज

महत्वाचो थारता. मनशांच्या संस्कृतीचें अध्ययन जावकूंच जाय. म्हणून मनशांच्या संस्कृतीचें अध्ययन करतना संस्कृतीक अध्ययन जावकूंच जाय. मागीर समाजाचें अध्ययन करतना संस्कृती अध्ययनांत स्वरुप, उद्‌गम आनी विकास गरजेचें जाता. वेगवेगळीं समाजशास्त्रां (Social Sciencies) मनशाच्या संस्कृतीचें अध्ययन करत आसतात. समाजशास्त्रान आपलो असो वेगळो भाग थारायला. तो म्हणल्यार समाजीक संबंध आनी परंपरा. मनशाच्या समाजांत रावप म्हणल्यार ताका सगळ्यां कडेन आपलो संबंध दवरचो पडटा. त्या संबंधांतल्यान निर्माण जावपी प्रस्न आनी अडचणीचें अध्ययन समाजशास्त्र करता. तांचे संबंध कशे निर्माण जातात आनी ताचो परिणाम कितें जाता असले विचार समाजशास्त्रांत जातात.[४४] मानव समाज आनी विशेश म्हणल्यार- मनशाच्या परस्परसंबंधांचो आनी मनशांच्या हेर मनशांकडेन जावपी वागणूकेचें अध्ययन करपाचें विज्ञान म्हणल्यार समाजशास्त्र जाता अशी साधारणपणान समाजशास्त्राची व्याख्या करतात.

## समाजशास्त्राचो अर्थ आनी परिभाशा

सोशियोलॉजी "सोशियो" आनी "लॉजी" हीं दोन उतरां मेळून जाता. सोशियोचो अर्थ जाता समाज; लॉजी चो अर्थ जाता 'ज्ञान' आनी विज्ञान. अशे तरेन सोशियोलॉजी चो अर्थ जाता. लैटिन भाशेंत "सोशियस" आनी ग्रीक भाशेंत "लोगस" मेळून ह्या शब्दाची निर्माणी जाल्या . समाजशास्त्र मनशांचें अर्थीक, धर्मीक, राजकी अशें वेगवेगळ्या नदरेंतल्या अध्ययन करता. समाज एक व्यवस्था आसा. त्या व्यवस्थे अंतर्गत वेगवेगळे प्रकार आनी चाली रीती हीं तत्वां मेळटात. जीं समाजीक सबंधांचेर आदारीत आसतात.[४५] किंग्जले डेव्हिस प्रमाण - समाजशास्त्र हें समाजविशयाचें सामान्य विज्ञान आसा.

किम्बल यंग प्रमाण -समाजशास्त्र हें समाजांत (रावतल्या) मनशांचें पद्धतशीर आनी व्यवस्थीत अध्ययन. म्हणल्यार मनशांच्या पुंज्यांच्या जिणेचें आनी पुंज्यांचें जीवनाकडेन संलग्न आशिल्ल्या रुढी, परंपरा, संस्था आनी आचार विचारांचे प्रकार हांचें अध्ययन.

ऑग्बर्ग आनी निमकॉफ - समाजशास्त्र म्हणल्यार समाजीक जीवनाचें वैज्ञानीक पध्दतीन केल्लें अध्ययन.

रॉबर्ट मॅकायवर - समाजीक संबंध हो समाजशास्त्राच्या अध्ययनाचो विशय.

मार्शल जोन्स - समाजशास्त्र हो मनशाच्या हेर मनशांकडेन आशिल्ल्या संबंधांच्या अध्ययनाचो विशय.

मॉरिस गिन्सबर्ग- स्थूलमानव मनशांच्या आंतरक्रिया आनी आंतरसंबंध आनी तांचीं कारणां आनी परिणाम हांचें अध्ययन म्हणल्यार समाजशास्त्र जाता.

मेरिल आनी एल्डरेज- समाजशास्त्र हें मनशांच्या संबंधांचें विज्ञान.

हॅरी जॉन्सन- समाजशास्त्र हें समाजीक समूहांसंबंधांचें विज्ञान आसा.[४६] म्हणल्यार विद्वाना प्रमाण समाज म्हणल्यार समाजीक समूहां वांगडा आशिल्लो अशें आमकां दिसून येता.

हेरी फेअरचाइल्ड- हांणी समाजशास्त्राचो शब्दकोश ह्या आपल्या संपादित केल्ल्या ग्रंथांत म्हणलां – समाजशास्त्र म्हणजे मानव आनी मानवी पर्यावरण हांच्या परस्पर संबंधाचें अध्ययन. ॲलेक्स इंकेल्स- समाजशास्त्र हो समाजीक क्रियेचो व्यवस्थांचो आनी तांच्या आंतरसंबंधांचो अभ्यास.[४७]

किम्बल यंग प्रमाण -व्यक्तीच्या समूहांतल्या वर्तनाचो अभ्यास ज्या शास्त्रांत करतात त्या शास्त्राक समाजशास्त्र म्हणतात[४८] समाजशास्त्राच्या अर्थाचेर उजवाड घातल्या उपरांत समाजशास्त्र म्हणल्यार मनशांच्या जिणेचें वा संस्कृतीचें पद्धतशीर अध्ययन म्हणल्यार समाजशास्त्र अशें आमच्यान म्हणूं येता.

## समाजशास्त्राचो इतिहास

समाजाच्या अभ्यासाची सुरवात पुरातन काळासावन जाल्या. मनीस हो विचारशील मोनजात, वा तो समाजांत समूह करून रावतालो. तेन्ना समाजीक जिणेंत उत्पन्न जातल्या अडचणींक तोंड दितना आपलें मत मांडटालो. वेग वेगळ्या तत्वज्ञान्यांनी वा धर्मोपदेशकांनी मनशांच्या समाजांतल्या वागणूकेचेर विचार करून आपलीं मतां मांडल्यांत. तेच तरेन वेगवेगळ्या तत्वज्ञान्यांनी समाजांतल्या वागणूकेचेर चिंतन करून आपले विचार मांडल्यात.[४९] अशें म्हणटात की विज्ञानाच्या रूपांतल्यान समाजशास्त्राची प्रतिष्ठा आनी स्वीकृती अमेरिकेन दिल्या. ती एक परजीवी शास्त्राच्या रूपांतल्यान भारतांत आयल्या. पूण बारीकसाणीन पळयल्यार भारतीय समाजा खातीर समाजशास्त्र चड महत्वाचें आसा. कित्याक तर भारतांत आयज जायत्या अडचणींचो जल्म जाता. जाका लागून भारताच्या उदरगतीक, भविश्यांत अडचणीक तोंड दिवपाक बरें पडटलें ते नदरेंतल्यान तें महत्वाचें थारता.[५०] ॲरिस्टॉटल (इ.स.पूर्व ३८४ ते ३२२) तेच तरेन मनु,

नारद, पराशर, विष्णु ह्या फामाद विचारवंतांनी "स्मृती" ग्रंथांत सामाजीक वागणूकेचे नेम घालून दिल्यात.[५१] १९ व्या शतकांत टॉनी, सिमेल आनी दुर्खीम ह्या समाजशास्त्रज्ञांनी समाजशास्त्राची उदरगत केली.[५२] फ्रांसांत इसवी सनाच्या १७५१ ते १७८० च्या सुमाराक "विश्वकोशाचे" खंड प्रसिद्ध जातकच समाजाच्या स्वरूपाची शास्त्रीय नदरेंतल्यान चर्चा जांवंक लागली.[५३] सेंट साइमन १७६०-१८२५ हाणें आपलो शिश्य आगुस्त कॉँत हाका घेवन १७९८-१८५७ "सामाजिक भौतिक शास्त्रां " Social Physics हें विज्ञान विकसीत करपाचें कर्य केलें.[५४] त्या उपरांत आगुस्त कॉँत Social Physics १८८२ ह्या वर्सा ताणी ताका Sociology म्हणलें.[५५]

इंग्लीशींत "The Enlightenment" म्हणल्यार बौद्धीक पुनरूज्जीवनाचें युग अशें म्हणटात, त्याच युगांत समाजशास्त्राचो जल्म जालो. फ्रेंच तत्वज्ञानी आगुस्त कॉँत हांणी १८३९ वर्सा समाजशास्त्र हें स्वतंत्र विज्ञान अशें सगळ्यांत पयलीं म्हणलें. हाकाच लागून आगुस्त कॉँत हांकां समाजशास्त्रो जनक म्हणटात.[५६] सगळ्या समाजीक शास्त्रां अंतर्गत वैज्ञानीक पद्धतींत अध्ययन करपाक पाश्चात्य देशांत सुरवात केली.[५७] तांच्या भायर हर्बर्ट स्पेन्सर, कार्ल मार्क्स, दुरखीम, मॅक्स वेबर, पॅरेटो, सी. एच. कूल, जी. एच. मीड, मर्टन, टॅलकॉट पर्सन्स, सम्नेरइ अशें अस्तंतेच्या समाजशास्त्रज्ञांनी आपलें योगदान दिलां.[५८] भरतांत डॉ. जी. एस. घुर्ये हांकां समाजशास्त्राचो जनक म्हणटात. तांणी भारतांत समाजशास्त्राची बुनयाद घातली.[५९] ऑगुस्त कॉँत हांणी 'socious' 'logos' ह्या दोन संज्ञेंतल्यान sociology ह्या संज्ञेच्या व्याप्तीचो इतिहास स्पश्ट केला. सहचर्याचें शास्त्र म्हणल्यार समाजशास्त्र science of companionship.[६०] हे सगळे चर्चेंतल्यान समाजशास्त्राचो इतिहास पळयलो. आतां आमी समाजशास्त्राचो उद्देश, उपयोग आनी महत्व समजून घेवंय.

## १.३ समाजशास्त्राचो उद्देश, उपयोग आनी महत्व

समाजशास्त्राचें अध्ययन आनी विवेचन केल्यार अशें लक्षांत येता की मनशाची संस्कृती आसता. साहित्याची रचणूक लेगीत मनीस करता. तो समाजांत रावन कश्ट करता. मनशाची अर्दी अवस्था पळयली जाल्यार साहित्य, कला आनी सभ्यता वा संस्कृतीचो सगळो विकास मनीस आनी समाजाच्या विकासाचो परिणाम आसा.[६१] समाजशास्त्राचे उद्देश खंयचे हें अध्ययन करप्याक खबर आसपाक जाय.

सगळ्यांत मुखेल उद्देश म्हणल्यार  मनशाच्या समाजाचे आनी तांच्या व्यक्तीच्या परस्परसंबंधांचें यथार्थ आकलन करून घेवप. समाजाच्या क्षेत्रांतली खरी वस्तुस्थिती, त्या रितीन जाल्लो बदल तातूंतल्यान कितें निश्पन्न जाला हाचें विवेचन करप म्हणल्या समाजशास्त्राचें अध्ययन. वेगवेगळ्या समाजीक संस्था वा घटकांचें अध्ययन. लोकसंख्येची आदली आनी आयची परिस्थिती जाणून ताचो फुडाराचो परिणाम सोदप असली चर्चा समाजशास्त्रज्ञ करतात. कुटुंब, भुरगीं आनी संघटना हांचो विचार समाजशास्त्रांत मांडटात. अशे तरेन वेगवेगळ्या आगांची संपूर्ण वा वस्तुनिष्ठ वळख करून दिवप समाजशास्त्राचें मुखेल प्रयोजन.[६२] समाजाचें अशे तरेन आकलन जावप म्हणल्यार मनशांच्या हिता खातीर बरें.

समाजाचें वस्तुनिष्ठ स्वरुपांत यथार्थ आकलन करुन घेवप हो समाजशास्त्राचो मुखेल उद्देश आनी उपयोग. मनशांच्या समूहाची आनी जिणेची सगळी म्हायती उपलब्द करुन घेवप. त्या म्हायतीचें समाजीक धोरण, समाजीक नियोजन, थारायतकच उपयोग करुन घेवप. समाजीक घटनांचेर सगळ्या सहकार्याचें नियंत्रण दवरप co-operative control of societal phenomena हें समाजशास्त्राचें दुसरें उद्दिश्ट.[६३] वेगवेगळ्या देशांतल्या समाजशास्त्राच्या जिणेचेर भरपूर म्हायती वस्तुनिश्ट स्वरुपांत आसा ती घेवप वा नवीन म्हायती मेळोवपाचो यत्न चालू करप. पूण समाजीक समस्या सोडोवपाक ह्या म्हायतीचो उपयोग करतात. दिसान दीस समाजीक समस्या उग्र रूप धारण करता. पूण महायुद्धा उपरांत समाजाचें भविश्य कितें, असल्या परिस्थितीक समाजीक घटनांचेर नियंत्रण दवरपाक समाजशास्त्राचें उद्दिश्ट थारता. तें दवरपांत एकामेकांच्या आधारान आतां सगळ्या समाजीक घटनांचेर नियंत्रण दवरपाक कितलें म्हत्व आसा तें आतां सगळ्यांक समजलां. आतां मनीस बदल्ला, जीण बदल्ल्या, व्यापार धंदो बदल्ला. एकामेकांच्या आदारान तांची प्रवृत्ती दिसून येता. समाजीक नियंत्रणान समाजाखातीर करपाच्या कार्याक्रमांत सुसूत्रताय येवची म्हण समाजीक घटनांच्या नियोजनाचे मार्ग सुचोवप समाजशास्त्राचो उद्देश आसता.[६४]

त्या त्या परिस्थिती प्रमाण त्या त्या समाजाचेर उपाय येवजीतात. समाजीक जिणेच्या वेगवेगळ्या आंगांचें अध्ययन करप आनी समाजाची वस्तुस्थिती वा कल्पना आसप गरजेची. धर्म, चालीरिती, नीतिकल्पना, समाजीक संस्था. ह्या आंगांक पळोवपाक समप्रमाण दृश्टिकोण (rational approach) आसप गरजेचें. समाजशास्त्रीय अध्ययनाची निश्पत्ती लागून सुमार ५०-६० वर्सांत सगळ्यांक चालना मेळ्ळी.[६५]

## समाजशास्त्राचें महत्व

समाजशास्त्राक आमचे जिणेंत चड महत्व आसता. ह्याच शस्त्राचेर आमच्या जिणेची जडण-घडण जाता. समाजशास्त्र खंयच स्थिर ना, आनी आसचेंना. समाजीक, राजनितीक, अर्थीक ह्या सगळ्या क्षेत्रांत वयर सकयल जायत आसता. आमच्या देशाची देख घेवन पळोवया. कुटुंब वाद, समाजीक वाद, जातीवाद, दायजवाद, आतंकवाद हांणी आपलीं मुळां घट केल्यांत. मनीस मनशाक वळखना, लग्नाचीं बंधना सदळ जाल्यांत, बेकारी, भ्रश्टाचार, गुन्यांव करप, भीक मागप, हातूंत ल्हान भुरगीं बळी पडटात आनी अशे जायते प्रस्न आसात. मनशाच्या खंयच्याय अडचणींक समाज लागू जाता. समाजशास्त्र मनशांच्या कल्याणा पासत वा समाजीक पुनर्निर्मणेच्या उपायाक समजूंक वैज्ञानीक उपाय सुचयतात.[६६] भारतांत समाजशास्त्रीय अध्ययनाची चड गरज आनी आवश्यकता आसा. समाजशास्त्रांत भावनात्मक एकीकरणाच्या संबंधान महत्वपूर्ण सुचोवण्यो दिवन साधना मेळोवपाचें कार्य करपा खातीर रूढिवाद, पूर्वाग्रह आनी अंधविश्वास पयस करपाक. समाजशास्त्राचें अध्ययन चडांत चड गरजेचें आसा.

## समाजशास्त्राचो अध्ययन विशय[६७]

मनशाच्या वेगवेगळ्या रीतीन परंपरे संबंधान केल्लें वर्णन हाचे वेल्यान समाजशास्त्राच्या अध्ययनाची कल्पना थरता. सादारणपणान

१) मनशांच्या समाजीक वागणूकेचो अभ्यास.

२) वेगवेगळ्या मनशांच्या समाजाचो आनी समाजीक समूहाचें अध्ययन.

३) सगळ्या मनशांच्या समाजाचें अध्ययन.

१) मनशाच्या समाजीक वागणूकेचें अध्ययन जॉर्ज सिमेल आनी व्हॉन वीझ ह्या जर्मन समाजशास्त्रज्ञांनी वागणूकेच्या अध्ययनाच्या विशयाक महत्व दिलां. व्हॉन वीझ हांचो "संबंधांचो सिद्धान्त" (Theory of Relationship) व्यक्तींचे सहयोग संबंध (Association) वियोजन (Dissociation) अशा स्वरुपाचें चिकित्सक अध्ययन तांणी केलां.[६८]

२) वेगवेगळ्या मनशांच्या समाजाचें आनी समाजीक समूहाचें अध्ययन - खंयच्याय समाजांत समाजीक पुंजो आसता. त्या त्या मनशांचे त्या पुंज्यांकडेन विशेश संबंध आसतात. देखीक- विद्यापीठ, गांव, शार, राजकीय पक्ष आनी कामगार संघ हांचो सगळ्यांचो हेतू मात विशेश आसता. हातूंत दोन प्रकार मेळटात.

१) समूहाचें साकल्ल्यान केल्लें अध्ययन.

२) समूहाचें विवक्षित आनी वैशिश्ट्यांचें अध्ययन.

साकल्ल्याचें अध्ययन म्हणल्यार आदिवासी समाजाचें केल्लें अध्ययन. हातूंत गांव आनी शार हांचें लेगीत अध्ययन करतात. रिव्हर्स प्रिचर्ड, रॅडक्लिफ ब्राउन हांणी मानवशास्त्राचेर अध्ययन केलां.[६९] ३) सगळ्या मनशांच्या समाजाचें अध्ययन -सगळ्या मनशांचो एक समाज आशी कल्पना करुन तांच्या सगळ्या आंगांचें अध्ययन करतात. विल्यम वेस्टरमार्क हांणी मानवाच्या विवाह संस्थेचो इतिहास. हातूंत (Principle of Ristricted Mating) हाचेर चर्चा केल्या.

एमिल दुरकीम हे फ्रेंच समाजशास्त्रज्ञ हांणी आत्महत्येचेर अध्ययन केलां. मॅक्स वेबर हांणी धर्मीक परंपरेचेर विवेचन केलां. कार्ल मार्क्स विरोध विकासाचेर आधारलेले समाजीक बदल ते समाजाचे विचार एकटांय करुन ताचें प्रतीपादन केलां. इतिहास अध्ययन ह्या ग्रंथांत मानव समाजाचो इतिहास मेळटा.

हॉबहाउस हांणी मानव विकासाचीं तत्वां सांगल्यांत.[७०]

१) फ्रेंच समाजशास्त्रज्ञ एमिल दुरखीम हांणी समाजशास्त्र विशयाचे तीन विभाग केल्यात.

१) समाजीक आकारशास्त्र आनी स्वरुपशास्त्र (Social Morphology) - भायल्यो परिस्थिती आनी लोकसंख्या विशयांचो आसपाव हातूंत जाता.

२) समाजीक शरीरशास्त्र (Social Physiology) समाजीक जीवनाचीं धर्म, नीत, अर्थव्यवस्था हीं विशेश आंगां हांचें महत्व चडांत चड आसा.

३) सामान्य समाजशास्त्र (General Sociology) समाजांतल्यो घडामोडी, प्रक्रिया हांचें अध्ययन आनी सिद्धांत सोदून काडपाचें काम हातूंत करतात.

२) इंग्लिश समाजशास्त्रज्ञ मॉरिस गिन्सबर्ग हांणी समाजशास्त्राचे चार वांटे केल्यात.

१) समाजीक आकारशास्त्र आनी स्वरूप शास्त्र (Social Morphology)

हातूंत लोकांची संख्या, समाज रचना, समाजीक समूह समाजीक संस्था हांचो आसपाव जाता.

२) समाजीक नियंत्रण धर्म, नीत कायदो हांचेर नियंत्रण करपाचीं साधना हातूंत सांगल्यांत.

३) समाजीक प्रक्रिया व्यक्ती आनी समूह हांच्या आंतर- क्रियेचेर विश्लेशण आसा.

समाजीक सहयोग, आनी संघर्श, भेदीकरण आनी एकीकरण (Social Differentiation and Integration). समाजीक विकास आनी -हास (Social development and decay) हांचेर हातूंत विचार केला.

४) समाजीक विकृती शास्त्र (Social Patology), समाजीक विषमयोजना (Social Mal Adjustments), समाजीक क्षोभ (Social Disturbances) अशें अध्ययन करतात.

१) समाजीक रचना (Social Structure) समूह, संस्था ह्या समाजीक व्यवस्थेचेर अध्ययन.

२) समाजीक कार्य (Social Functions) समाज व्यवस्था टिकोवपाक आवश्यक गरज भागोवपाक ज्यो समाजीक संघटना आनी तांचीं कामां हाचों संबंध कसो आसा, एकांत बदल जालो जाल्यार दुस-यांत जावप गरजेचे आसात काय? समाजीक कर्यक्षमता (Social Efficiency) आनी अकर्यक्षमता म्हणल्यार कितें? असल्या प्रश्नाचें अध्ययन करतात.

३) समाजीक आंतरक्रिया मनशाच्या संपर्काचें स्वरूप, सामुहिक वागणूक आनी स्पर्धा, संघर्श हांची प्रक्रिया मानवी जिणेंतल्या कामाचें अध्ययन जाता.

४) व्यक्ती आनी समाज मनशांचीं व्यक्तिमत्वां समाजांत कशीं घडटात?

समाजांत वेगळ्या प्रकारांचे उपयोग कशे रीतीन जातात, वेगळ्या समाजीक परिस्थितीच्या योगान खंयची मानसीक प्रक्रिया जाता? ह्या सगळ्यांचो अभ्यास जाता.

५) समाजीक परिवर्तन, समाजीक परिवर्तन प्रक्रिया, दिशा, करणां, गती हांची चर्चा आनी अध्ययन करतात. हे प्रस्न ब-याच समाजशास्त्रज्ञांनी सोडोवपाचो यत्न केला. मनशाची भायली परिस्थिती बदलत आसता. समाजशास्त्रांत अभ्यास स्थिर (Static) वा गतीशील (Dynamic) आसता हें लक्षांत दवरपाक जाय.[७१] आतां समाजशास्त्राचो हेर विज्ञानांकडेन आशिल्ल्या संबंधांविशीं पळोवया.

## १.४ समाजशास्त्राचो हेर विज्ञानांकडेन संबंध

समाजशास्त्राचें वर्गीकरण समजून घेतना प्रा. इ. आर. सेलिंगमन हांणी समाजीक शास्त्राचें वर्गीकरण केला.

| **शुद्ध समाजीक शास्त्र** | **अर्द समाजीक शास्त्र** | **समाजीक अर्थ आशिल्लीं शास्त्रां** |
|---|---|---|
| राज्यशास्त्र | नीतिशास्त्र | जीवशास्त्र |
| अर्थशास्त्र | शिक्षणशास्त्र | भुगोल |
| इतिहासशास्त्र | तत्वज्ञान | भाषाशास्त्र |
| कायदो | मानसशास्त्र | कलाशास्त्र |
| मानववंशशास्त्र | | |
| समाजशास्त्र | | |
| दंडशास्त्र[७२] | | |

समाजशास्त्र हें एक विज्ञानीक शास्त्र. सगळ्या विज्ञानांचो उद्देश एक आसा तो म्हणल्यार आपल्या अध्ययनाच्या विशयांचें संपूर्ण ज्ञान प्राप्त करून घेवप. मानवसमाज आनी तातूंतल्यान मनशांचो परस्पर एकामेकाकडेन यथार्थ आनी पूर्ण संबंध समजून घेवपाचो प्रयत्न करून घेवप. होच समाजशास्त्राचो मुखेल उद्देश. तशेंच सगळ्या विज्ञानांची आपल्या अध्ययन विशयाची म्हायती मेळोवपाची. ती म्हायती वस्तुनिष्ठ स्वरूपांत मेळोवन घेतात त्याच आधाराचेर नेम आनी तत्वांतल्यान मार्ग निश्चित करतात. तशेंच समाजशास्त्रांत लेगीत तीच पध्दत वापरतात. विज्ञानांत जशें नैसर्गिक, भौतिक क्षेत्रांत वस्तूंचें आनी घटकांचें अध्ययन करतात तेच तरेन समाज विज्ञानांत मनशाच्या वागणूकेचें अध्ययन करतात. समाजीक विज्ञान हें अशें एक विज्ञान जें बाकीच्या विज्ञानांकडेन बरे संबंध दवरता. ते खातीर ज्ञानाचें आदान प्रधान जाता.[७३]

## समाजशास्त्र आनी दर्शनशास्त्र

दर्शन विशीं समाजशास्त्राच्या आदारान विचार व्यक्त करतना बांटोमोर म्हणटा समजशास्त्राचो प्रादुर्भाव चड करून दर्शनीक आकांक्षांच्या अन्तर्गत मनशाच्या इतिहासाच्या विकासाच्या कारणांचो सोद घेवपाक १९ व्या शेंकड्यांत युरोपाची समाजीक संक्रमणाची व्याख्या करपाक वा समाजीक नितीक निर्देशित करपाक समाजीक सिद्धान्ताची निर्मणी करपाक जालो. पूण आयच्या समाजशास्त्रीय अध्ययनांत दर्शन पूर्ण रूपांतल्यान वेगळें दिसून येता. विज्ञानाच्या दर्शन प्रमाण समाजशास्त्राचें एक दर्शन आसा, ताच्या अन्तर्गत समाजशास्त्रीय अध्ययनांत प्रयुक्त पद्धती, अवधारणेच्या आधाराचेर विवेचन जाता. समाजशास्त्र प्रत्यक्ष रूपांतल्यान दर्शनीक चिन्तनाकडेन व्हरून पावयता. दुर्खीम प्रमाण "म्हजो विश्वास असो आसा की विज्ञानाच्या अपेक्षांक समाजशास्त्र दर्शनीक प्रस्नांच्या नवीनीकरणांत चड योगदान करूंक शकता." समाजशास्त्रीय निश्कर्श ल्हवु-ल्हवु दर्शनिक स्वरूप प्राप्त करीत आसात. समाजीक चिंतनाच्या फाटल्यान दर्शनीक अडचणी आसतात. कार्ल मैनहीमान ह्या तथ्याचो स्विकार केल्लो पळोवपाक मेळटा. समाजशास्त्राच्या विशयाक समग्र मनशाच्या समाजीक व्यवहार वा ताचे कडल्यान प्रभावीत, प्रेरक समाजीक संबंध आसात. हे समाजीक संबंध आनी व्यवहार मूल्यां निर्देशीत करतात. ते पासत समाज दर्शन मनशाच्या जिणेच्या घटनांचें तार्किक विवेचन करीत आसता आनी रचनात्मक व्याख्या लेगीत करीत

आसता. व्यक्तीगत इच्छा आनी आशा ही समाजीक प्रगती वा परिवर्तनाक प्रेरीत करता. आकांक्षा आनी अभिलाशेच्या कमीपणाक लागून संस्कृतीक मूल्यांचें कांयच महत्व उरूंक ना अशें म्हणटात.

जिन्सबर्ग प्रमाण मानवीय जिणेच्या संम्पूर्ण अध्ययनांत समाज विज्ञान आनी दर्शनाचो समन्वय जायत आसता. पूण तें तातूंत भरसून एकरूप जायना.[७४] दर्शनशास्त्राचो समाजशास्त्राचेर स्पष्ट प्रभाव दिसता. वेब ह्या समाज शास्त्रज्ञान स्वता स्विकार केला की ताच्या समाजीक अनुसंधानाच्या फाटल्यान ताच्या दर्शनीक सिध्दांत आनी रचनात्मक समाजीक जिणेचो प्रमुख हात आसा. हें एक तथ्य आसा की पाश्चात्य जगांत समाजशास्त्राच्या विकासांत समाजीक दर्शनाचें विशेश योगदान आसा.[७५]

## समाजशास्त्र आनी अर्थशास्त्र

चंद्रगुप्त राजाचो चाणाक्य प्रधान आशिल्लो आनी ताणें अर्थशास्त्र ग्रंथ रचिल्लो म्हणपाची खबर आमगेल्या जाणटेल्यांक आसली. पूण अर्थशास्त्र ग्रंथाची प्रत मात मेळूंक नाशिल्ली.[७६] ह्याच अर्थशास्त्राक समाजशास्त्रांत बरे तरेन उपयोगांत हाडूं येता. तेच तरेन मनशांच्या वागणूकेचो आंतरक्रियांचो अभ्यास दोनूय शास्त्रांतल्यान करूं येता. मनशाच्या वागणूकेच्या खंयच्याय भागाचेर लक्ष केंद्रीत करपाचें हाचेर ह्या दोनूय शास्त्रांत मूळ स्वरूपाचे भेद आसात. अर्थशास्त्र हें मनशाच्या अर्थीक वागणूकेचें आनी प्रस्नांचें अध्ययन करता. पूण त्यो भागोवपाक साधनां अपूरीं आसतात. गरजो आनी साधनांचो मेळ घालपाच्या प्रयत्नाक अर्थीक प्रस्न म्हणटात. तें सोडोवपाक केल्ले वागणूकेक अर्थीक वागणूक म्हणूं येता. तेन्ना मनशांच्या विवक्षित क्षेत्रांतल्या वागणूकेच्या अध्ययनाक अर्थशास्त्र अशें म्हणलां. मनशाच्या सगळ्या क्षेत्रांतली वागणूक आनी परस्परसंबंधांचें सविस्तर अध्ययन म्हणल्यार समाजशास्त्र. देखीक- स्पर्धेच्या प्रक्रियेचें अध्ययन. अर्थीक व्यवहारांतल्या स्पर्धेपुरतेंच अध्ययन मर्यादित आसता. तेन्ना 'स्पर्धा' ही मनशांच्या परस्परसंबंधांची एक बाजू आसून अर्थीक क्षेत्राबरोबर राजकी, समाजीक आनी धर्मीक अशीं वेगवेगळ्या जिवनाचीं वेगळीं क्षेत्रां कशे रीतीन दिसतात हाची समजावणी समाजशास्त्र करता. अर्थशास्त्र हें विशिश्ट समाजीक विज्ञान तर समाजशास्त्र हें सामान्य समाजीक विज्ञान. धर्मशास्त्र आनी समाजशास्त्र हांच्यांत जर भेद आसलो तरी दोनीय शास्त्रां एकामेका कडेन वेगवेगळ्या प्रकारांत आसून दोगांयच्या अध्ययनाचे समान विशय सारके वाडत आसात. अर्थीक घडामोडींचो समाज जिवनाचेर परिणाम जाता. तेच तरेन समाजाच्या अर्थीक क्षेत्रांत दिसून येवपी बदल हो समाजीक परिवर्तनाचो एक भाग आसता. मालक आनी कामगार

हांच्या अर्थीक क्षेत्रांत दिसून येवपी संबंध हें समाजाचे दोन समूहांत दिसून येवपी वेगवेगळ्या संबंधातलेच आसतात. खंयच्याय समाजाची अर्थव्यवस्था ही त्या समाजाच्या रचनेचो एक भाग आसता. श्रमविभागणी, औद्योगिक संघटना, अशा अर्थीक प्रस्नांक समाजीक बाजू आसतात. भांडवलदार, समाजवाद, साम्यवाद, अर्थीक क्षेत्रांतल्या विचार प्रवाहाकडेन समाजीक दृष्टिकोणाकडेन आनी उद्दिश्टांकडेन लागीं आसता. राष्ट्राच्या अर्थीक प्रगतींत आनी विशेश अविकसीत देशांच्या अर्थीक विकासाच्या कार्यक्रमांत सामाजीक महत्व आसता. इतलेंच न्हय तर अर्थशास्त्र आनी समाजशास्त्र ह्या दोनूय विज्ञानांचीं अध्ययन क्षेत्रां वाडत्या प्रमाणांत परस्परव्यापक (Overlaping) जायत आसात. हालीं हालीं तर अर्थशास्त्रज्ञ समाजशास्त्रीय अध्ययनांत मोलाची भर घालत आसात पूण ताचें आनी विस्तारान अध्ययन करचें पडटलें.[७७] कित्याक तर समाजांत अर्थशास्त्र चडांत चड महत्वाचें थारता. ह्या अर्थशास्त्राचेर पूराय समाजाची बांदावळ आदारून आसता.

## समाजशास्त्र आनी राज्यशास्त्र

मनशाच्या वागणूकेचें आनी मनशाच्या परस्परसंबंधाचें अध्ययन समाजशास्त्रावरी राज्यशास्त्रांत करतात. पूण ह्या परस्परसंबंधांचें खंयच्या बाबतींत लक्ष केंद्रीत करपाचें ह्या विशयांत दोन शास्त्रांत भेद आसात. व्यक्ति आनी शासन हांचें परस्परसंबंधाचें अध्ययन राज्यशास्त्रांत करपाचें आसल्यार प्रशासन, कायदो, आंतरराष्ट्रिय संबंध अशा शासन संबंधित विशयांचें खास अध्ययन राज्यशास्त्रांत करतात. पूण समाजशास्त्रांच्या अध्ययनांत मनशाच्या परस्परसंबंधाच्या सगळ्या प्रकारांचो समावेश करतात. मनशांचे हेर मनशांकडेन खंयचेय वागणूकेचें अध्ययन समाजशास्त्रांत करतात. ते खातीर राज्यशास्त्र समाजशास्त्राचें अध्ययन व्यापक जाता. मनशाच्या वागणूकेचो एक विशिश्ट प्रकार म्हणून शासनाचें अध्ययन राज्यशास्त्रांत करतात. तरी मनशाच्या सर्वसाधारण वागणूकेचो एक भाग म्हणून शासनाचो विचार समाजशास्त्रांत करतात. शासनसंस्था, रूढी, नितीनियम ह्या गजालींचो उपयोग करून समाजशास्त्राचेर नियंत्रण करतात. तेन्ना समाजीक नियंत्रणाचें एक स्वरूप ह्या दृष्टिकोणांतल्यान समाजशास्त्र शासनसंस्थेचो विचार करता. देखून राज्यशास्त्र हें विशिश्ट समाजीक विज्ञान जाता तर समाजशास्त्र हें सामान्य समाजीक विज्ञान राजकी संघर्शाचो एक प्रकार म्हण युद्ध संस्थेचो विचार राज्यशास्त्रांत करतात. तर मानवी समूहांचो परस्परसंबंधांचो एक प्रकार ह्या दृष्टिन समाजशास्त्रांत युद्धसंस्थेचें अध्ययन करतात. आनी युद्धाचो मनशाच्या जिणेचेर

जाल्लो परिणाम राजकीय जिवनाचेर विवेचन करता. शासनसंस्थेंतल्यान घालतल्या निर्बंधांचो परिणाम राजकी जिवनाचेर, समाजीक जिवनाचेर घडत आसता म्हणून शासकी संस्थांचें समाजीक संस्थांकडेन आशिल्लें संबंद्धांचें अध्ययन दोनय शास्त्रांत करतात. राज्यशास्त्रांत समाजशास्त्राची विभागणी करप कठीण तांचो दोगांयचो सामको लागिंचो संबंद आसता. त्या क्षेत्रांत ते परस्पर विरोधी नासून परस्पर पूरक आसात.[७८] राज्यशास्त्राचें पडबिंब समाजशास्त्राचेर जाता. कित्याक तर राज्यशास्त्रांत जे बरे वा वायट बदल जातात तातूंतल्यान समाजाचें चित्र समाजशास्त्रांत दिसता.

## समाजशास्त्र आनी समाजीक मानवशास्त्र

'Anthropology' anthropos म्हणल्यार मानव आनी logos शास्त्र वा अध्ययन ह्या ग्रीक उतरांल्यान जाला. Anthropology चो अर्थ मानवशास्त्र असो जाता. तेन्ना मानवसंबंधीत विज्ञान Science of man वा मानव समाजविशयाचें विज्ञान Science of Human Society म्हणल्यार मानसशास्त्र.[७९] मानवशास्त्राचो उद्देश मनशाच्या जिणेंच्या विवक्षित आंगाचें अध्ययन करप.[८०] तेच तरेन मनशांच्या स्वभावाच्या यथार्थ ज्ञानाची जाणिव करून दिवप हें समाजीक मानवशास्त्राचें काम.[८१] समाजशास्त्र आनी समाजीक मानवशास्त्र हांचे सामके लागींचे संबंध आसतात. मनशा विशींचें विज्ञान म्हणल्यार मानवशास्त्र आनी मानव- समाजविशयक विज्ञान म्हणल्यार समाजशास्त्र. ह्या शास्त्राची यथार्थ कल्पना फक्त मानवशास्त्र स्वरूपांत येता. मनशाचें अध्ययन करपाक मानवशास्त्र अध्ययन आवश्यक थारता. मानवशास्त्रांत मनशाच्या अध्ययनाक काळाचें बंधंन आसना. आधुनीक काळ धरून मनशाच्या इतिहास पूर्व काळाच्या मनशाच्या आनी मनुश्यदृश्य प्राण्यांचें अध्ययन मानवशास्त्रांत करतात. स्थळाचें बंधन ह्या शास्त्रांत आसना. संस्कृतिक दर्जो लेगीत अध्ययन करपाक उपकारा पडटा. मनीस आनी ताची कृती म्हणल्यार मानवशास्त्र. हो विशय सामको व्यापक आसून लेगीत तांच्यो शाखा आनी उपशाखा निर्माण जाल्यात.[८२]

डॉ. चार्लस विनिक हांच्या "मानवशास्त्राचो परिभाषा कोश" ह्या ग्रंथांत समाजाचे प्रकार वा संस्था हांचें पद्धतशीर वा तौलनीक अध्ययन करपाच्या दृष्टिकोणांत केल्ल्या समाजीक वर्तनाचें अध्ययन म्हणल्यार समाजीक मानवशास्त्र. इंग्लंडचे श्रेष्ठ समाजीक मानवशास्त्रज्ञ प्रा. ई. ई. इव्हान्स प्रिचर् हांणी समाजीक मानवशास्त्राची अशी व्याख्या केल्या. "कुटुंब, आप्त संबंध- व्यवस्था, राजकीय संघटना, विधीपद्धती

धर्मीक संप्रदाय ह्या सारख्या संस्थांनी घालून दिल्ल्या समाजीक वर्तनाचो आनी असल्या संस्थांचें परस्परसंबंधांचें अध्ययन समाजीक मानवशास्त्र करतात.[८३] भारतांतले समाजीक मानवशास्त्रज्ञ डॉ. डी. एन. मजुमदार आनी तांचे सहकारी, प्रो. टी. एन. मदन हांणी समाजीक जिणेचे वेगवेगळे प्रकार वा समाजीक जिणेचो विकास हांचें अध्ययन म्हणल्यार समाजीक मानवशास्त्र.[८४] मानवशास्त्राची अध्ययनाची विभागणी तातूंत खोलायेन वचनासतना पळोवया.

- शारिरीक मानवशास्त्र Physical Anthropology

- मनशाच्या वेगवेगळ्या कृतींचो अभ्यास Study of the works of man

- सांस्कृतीक वा समाजीक मानवशास्त्र Cultural or Social Anthropology

- अर्थीक मानवशास्त्र Economic Anthropology

- भाशीक मानवशास्त्र Linguistic Anthropology

- मनीस जातीशास्त्र Ethnology

- इतिहासपूर्वकाळांतल्या जीवनाची कल्पना दिवपी प्रागैतिहासिक पुरातत्व Pre-Historic Archaeology

मानवशास्त्र विवेचनांतल्यान अशें दिसून येता की समाजशास्त्र आनी समाजीक मानवशास्त्र हातूंत बरेंच साम्य आसा.[८५]

## समाजशास्त्र आनी मानसशास्त्र

मानसशास्त्राची शाखा म्हण समाजीक मानवशास्त्राची सुरवात जाल्या. पूण फाटल्या ५० वर्सांत ह्या शाखेंत चडांतचड प्रगती जाल्या. समाजांत वावूरतल्या मनशांच्या वागणूकेचो विज्ञानीक पद्धतीन सामाजीक मानसशास्त्र अध्ययन करता. समाजांतल्या व्यक्तींची परंपरेचेर परिणाम करपाची जी क्रिया चालू आसता तिका आंतरक्रिया अशें म्हणटात. हाचें अध्ययन समाजीक मानसशास्त्रांत करतात.[८६]

आंतरक्रिया तीन प्रकारची आसता

- व्यक्तींची परस्परांमदली आंतरक्रिया

- व्यक्तींची तांच्या समूहाकडेन जावपी आंतरक्रिया

- समूहांची एकामेकांकडेन जावपी आंतरक्रिया

एका विज्ञानाचें अध्ययन करतल्याक दुस-या विज्ञानाचें ज्ञान आसप आवश्यक आसता. विद्यापीठांत लेगीत समाजशास्त्र, सामाजीक मानसशास्त्र हांचें एकठांय शिक्षण दितात. हीं दोनूय शास्त्रां इतलीं लागीं आसून लेगीत तांच्यांत सामको मूलभूत फरक आसा तो लक्षांत घेवपाक जाय. देखीक- समाजीक आंतरक्रिया Social Interaction. व्यक्तीचे समाजीकरण Socialization Attitudes आनी मतां Opinions. व्यक्तींचो समूहांचेर आनी तांच्या आंतरक्रियांच्यो मानसिक प्रकिया जाणून घेवपाचो प्रयत्न समाजशास्त्रांत करतात. अमेरीकन डॉ. गार्डनर मर्फी प्रमाण- व्यक्ती एखाद्या समाजीक समूहाची कशे रीतीन सभासद जाता आनी त्या समूहांत ती खंयच्या प्रकारांत वावर करता हाचें अध्ययन समाजशास्त्र करता. म्हणल्यार व्यक्तीक प्रधान्य दिवन समाजीक आंतरक्रियांचें अध्ययन समाजीक मानसशास्त्रांत करतात. आंतरक्रियांखातीर कुटुंब, कुळ Clan समुदाय, समूह आनी लग्न मालमत्ता तेच तरेन, धर्म, आदी संस्था निर्माण जातात. ह्या समुहांचो आनी संस्थांचें अध्ययन समाजशास्त्री करतात.[८७] समुहांची सुरवात, वाढ, सातत्य, नियंत्रण आनी परिवर्तन ह्या अभ्यासाचेर समाजशास्त्री भर दितात. देखीक - चोरांची टोळी हांचेर अध्ययन करताना शिक्षण, धर्म, आनी समाजीक संस्था समाजशास्त्री अध्ययन करतात. समूह हो व्यक्तींचो आसता आनी व्यक्तींक समूहाखेरीज अस्तित्व आसना म्हणून समाजशास्त्रांत आनी समाजीक मानसशास्त्रांत बरीच समानताय आसता.

## समाजशास्त्र आनी समाजकार्य

समाजशास्त्र आनी समाजकार्य हें एकच आसा अशी कांय लोकांची समजूत आसा. पूण हीं दोन स्वतंत्र समाजीक विज्ञानां आसात. समाजशास्त्र विज्ञानांत मनशाच्या समाजीक वागणूकेचो विचार करतना त्या मनशांचो हेरांकडेन आशिल्ल्या संबंधांचें आध्ययन करतात. मानवी वागणूक बेसबरेतरेन समजून घेवप हो समाजशास्त्राचो मुखेल उद्देश आसा. समाजकार्य ह्या विज्ञानांत व्यक्ती आनी तांचो सैम हांचे संबंध कशे चड प्रभावी आनी समाधानकारक जातले हाचो विचार करतात. सैमांत व्यक्तीच्या भोंवतणचो समाजीक

सांस्कृतीक आदी परिस्थितीचो समावेश जाता. त्यो व्यक्ती अशा सैमाकडेन कशे तरेन समरस जावं शकतले हाचो मार्ग समाजकार्य दाखयता. ते खातीर समाजकार्य हें चिकित्सात्मक Therapeutic वा परिहारक Curative पद्धतीचें विज्ञान. समाजशास्त्र आनी समाजकार्य हातूंत क्षेत्र आनी हेतू हातूंत इतलो जरी फरक आसलो तरी लेगीत समाजकार्याचें अध्ययन करतल्याक समाजशास्त्राचेर आदारून रावचें पडटा. व्यक्ती आनी सैम हांचो अन्योन्य समायोजनाचे Mutal Adjustment उत्कृश्ट उपाय सुचोवपाक समाजकार्य अध्ययन करतल्याक मानवी वागणुकेची प्रेरणा आनी प्रकार, मानवी संबंधांची गतिशीलताय Dynamics of Human Relations[८८] हांचो समाजशास्त्रीय ज्ञनाचेर आदारिल्ल्या निश्कर्शाक समाजकार्याची दिशा निश्चित करताना उपयोग जाता.

## समाजशास्त्र आनी जीवशास्त्र

पयलीं वनस्पत उत्पन्न जाली आनी ताचो अन्नासारखो उपयोग जावन मागीर ताची प्राणिसृष्टी निर्माण जाली अशें तैतिरीय उपनिषदांत प्रतिपादन केल्लें आसा.[८९] अर्थ - पृथ्वीपासून वखद, ताच्या पासून अन्न आनी ताच्या पासून पुरूष निर्माण जालो.[९०] अशे तरेन जीवशास्त्राची सुरवात जाली आसूंक जाय. जीवशास्त्र एक नैसर्गिक विज्ञान आसा. मोनजातीची उत्पत्ती आनी विकास हांचें सविस्तर अध्ययन करप जीवशास्त्राचें प्रमुख कार्य आसा.

जीवांची उत्क्रांती, तांचे शारिरिक गुणधर्म, तांच्या शरिर रचनेंत जातले बदल, सैमाचे तांचेर जाल्ले परिणाम, तांची अनुवंशिकता Mechanism of Heridity ह्या गजालींचेर जीवशास्त्र लक्ष केंद्रीत करता. जीवशास्त्राचे दृष्टीन मनीस लेगीत एक मोनजात आसून हेर मोनजातीं प्रमाण मनशाचें लेगीत अध्ययन जीवशास्त्रांत करतात. ह्या अध्ययनाचो समाजशास्त्रीय तज्ञांक उपेग जाता. मनीस हो सस्तन Mammals मोनजातींतल्या सगल्यांत वयल्या दर्जाची मोनजात आशिल्ल्यान त्या मोनजातीच्या शारिरीक कार्याची सगळी म्हायती मेळटा. त्या म्हायतीच्या आदारान मनशाच्या वंशाची विभागणी वा मनशाची वांशिक दृष्ट्या विचार करपाक समाजशास्त्राज्ञांक सोपें जाता. तशेंच मोनजातीक जगपाखातीर जल्मा उपरांत बरोच काळ स्वजातीच्या मोनजातीच्या सहकार्याचेर आदारून रावचें पडटा. कित्याक तर ताचें अस्तित्व वा ताचें परंपरागत सातत्य टिकिल्लें आसता. ते पासत मोनजाती स्वजातीयां बरोबर रावतात आनी सदांच

एकामेकांक मदत करतात. म्हण मोनजातींत समाजीकता दिसून येता. तांकां समाजीक स्वरूपाची मोनजात म्हणटात. मोनजातीच्या समाजीक जिणेचो विचार करतना समाजशास्त्राचें अध्ययन करतल्यांक जीवशास्त्रान दिल्ल्या मानवसदृश मोनजातीच्या सामूहिक जीवनाच्या म्हयतीचो उपयोग जाता. त्या भायर जनसंख्येचो प्रस्न सोडोवचो पडटा. तशेंच जीवशास्त्राच्या आदारावेल्यान औषधीविज्ञान आनी समाजशास्त्राचे लागिंचे संबंध आसात. आहारयोग, स्वास्थसंरक्षण, रोगनिर्मूलन हांचो जिणेंकडेन संबंध आसता.[११] मनशांच्या जिणेंत वनस्पत आनी पशू हांच्या आदारान जीवशास्त्रांतल्यान समाजशास्त्राचें अध्ययन जाता. मनीस जगपाखातीर भुगोलिक वा समाजीक परिस्थिती लागता. मनीस अध्ययनुकुलाचें Adaptation अध्ययन करतल्याक मानव परिस्थिती विज्ञान Human Ecology, मानव परिस्थितीविज्ञानाची सगळी कल्पना वनस्पति परिस्थितीविज्ञान Plant Ecology वा पशु परिस्थितीविज्ञान Animal Ecology ह्या जीवशास्त्राच्या विज्ञान शाखांच्या अध्ययनांतल्यान येता. हे खातीर हांचो समाजशास्त्रांत लागींचो संबंध आसा अशें जाणवता.[१२]

## समाजशास्त्र आनी इतिहासशास्त्र

इतिहासांत फक्त राज्यांतल्यो घडामोडी जणून घेतात अशी सर्वसाधारणपणान समजूत आसा. अध्ययनविशयाक संबंधित म्हायती मेळयतना वैज्ञानिक पद्धतीचो अवलंब करतात, पूण त्या म्हायतीचो आधार सर्वसामान्य नेम प्रस्थापित करपा खातीर यत्न करनात.

सगळीं समाजीक विज्ञानां इतिहासाचेर आदारून आसतात. देखून इतिहासांत वेगवेगळ्या प्रकारची मानवी जिणेची म्हायती नोंद करून दवरतात. तेन्ना हेर समाजीक विज्ञानां प्रमाण समाजशास्त्राचो उपयोग अशी म्हायती इतिहासांत मेळटा. देखीक- मानव समाज तुलनात्मक अध्ययन करतना समाजशास्त्रांतल्या वेगवेगळ्या कालखंडांतली म्हायती जाय आसता आनी ती फक्त इतिहासकारच दिवंक शकतात. इतिहासकार वा समाजशास्त्रज्ञ समाजांत रावतल्या मनशांच्या वागणूकेचें अध्ययन करीत आसले तरी तांच्या अध्ययनाच्या दृष्टिकोणांत वा स्वरूपांत महत्वाचे फरक आसतात.[१३]

थळ, काळ आनी व्यक्ती हांकां मेळिल्ले पुरावे, समाजीक जिवित आनी भोंवतणची परिस्थिथी म्हणल्यार इतिहास लेखन जाल्यार इतिहासांत समाज येता. अठराव्या शतमानांतलो फ्रेंच बरोवपी व्हॉल्तेर हाणीं

आपल्या (एस स्यूर ले मर्स) हातूंत इतिहास म्हणल्यार फक्त राजांचो आनी झुजांचो इतिहास न्हय, तर तो मनशांचो आनी चालीरितींचो इतिहास अशें म्हणलां.[९४]

इतिहासकार घटना व्यवस्थित लावपाचो यत्न करतात. इतिहासकार एकाद्रे देशांतल्या राज्यक्रांतीचें फक्त सविस्तर वर्णन करता, तर समाजशास्त्रज्ञ अशा प्रकारच्या वेगवेगळ्या देशांतल्या राज्यक्रांतींविशीं म्हायती मेळोवन ताच्या आदारान राज्यक्रांती संबंधांतल्यान सामान्य नेम सांगतात. तेखातीर खंयचाय देशांतल्या राज्यक्रांतीची कल्पना घेवप सोपें जाता. घटना मदल्या हेर घडामोंडींचेर (Unique Occurences) इतिहासकार भर दितात. पूण समाजशास्त्रज्ञ मात असल्या घटनांमदल्यान समानता सोदून काडपाचेर लक्ष केंद्रीत करतात. युद्धा संबंधांच्या अध्ययनाच्या स्वरुपाचें उदाहरण आमी घेवंक शकतात. पयलें आनी दुसरें महायुद्ध ह्या सारख्या व्हड युध्दांचो विचार करतना प्रत्येक युद्धांचीं कारणां आनी परिणाम वा युद्धकाळांतल्यो घटना हांची म्हायती इतिहासकार दितात. पूण समाजशास्त्रज्ञ पयलें महायुध्द, दुसरें महायुध्द ह्या युध्दांचो वेगळो विचार करनात. सगळ्या युध्दांतल्यान समान अध्ययन करतात वा ताचेरूच युध्द ही एक समाजीक घटनाच कशीं हें दाखोवपाचो यत्न करतात. देखून मनशाच्या वागणूकेचो एक प्रकार म्हण युध्दाक समाजशास्त्रज्ञ पळयतना सामाजीक परिस्थितींतल्यान हो प्रकार घडला हाचो विचार करतात. जर एका देशांत एक घटना घडली जाल्यार इतिहासकार ताचो विचार करतात . त्या घटनांक लागीं आशिल्ल्या समाजीक संबंधांचें खोलायेन अध्ययन करतात. देखीक- नेपोलियनान केल्ल्या युद्धांचें विश्लेशण करतना इतिहासकार त्या युद्धांच्या संबंधित घडामोडींचेर भर दितात. पूण त्या युध्दांचे लोकजिणेर जाल्ले परिणाम, तें युध्द जातकच युरोपांत राष्ट्रवादी वृत्तीच्या प्रचाराक केल्लें कार्य, लोकांक  जागोवपाक केल्ले प्रचार ह्या गजालींचेर समाजशास्त्रज्ञ विशेष लक्ष दितात. एका घटनेच्या नदरेंतल्यान समाज जिणेचेर समाजशास्त्रज्ञ ताचेर विचार करतात. समाजीक नदरेन इतिहासकार विचार करतात. तें काम करूंक फक्त समाजशास्त्रज्ञ वा इतिहास समाजशास्त्रज्ञ म्हत्वाचो थारता.[९५]

## समाजशास्त्र आनी तत्वज्ञान

तत्वज्ञानाच्या चिंतनांतल्यान समाजशास्त्राचो उदय जालो. एकोणिसाव्या शतकांत जाल्ल्या अभूतपूर्व समाजीक घडामोडींचें विवेचन करप आनी समाजीक नीतीन कार्यप्रणाली (Social Policy) निश्चित करपाक मार्गदर्शनीक समाजीक मत वा सिद्धांत (Social Doctrines) प्रतिपादन करप अशा तत्वाच्या

हेतून समाजशास्त्राचो जल्म जालो.[१६] मागीर समाजशास्त्राचे हे हेतू फाटी पडले आनी समाजशास्त्राक एक समाजीक विज्ञानाचें स्वरूप आयलें. हालीं हे हेतू कोण मान्य करनात. तरी लेगीत समाजशास्त्राचो तत्वज्ञानाकडेन तीन गजालींतल्यान संबंध येता.

पयली गजाल म्हणल्यार विज्ञानाचें तत्वज्ञान तशेंच समाजशास्त्राचें तत्वज्ञान. समाजशास्त्राच्या तत्वज्ञानांत समाजशास्त्राच्यो अध्ययन-पद्धती, संकल्पना हांचें परीक्षण करतात. अशें तात्विक परीक्षण समाजशास्त्राच्या अध्ययनांत सदांच करतात. तर सैमीक विज्ञानाच्या अध्ययनापरस समाजशास्त्राचें अध्ययन चड गरजेचें थारता.

समाजशास्त्राचे समाजीक तत्वज्ञानाकडेन लागीचे संबंध आसात. समाजीक तत्वज्ञान सामकें विशाल आसा ताची ज्ञान- मीमांसा (Epistemology) वा मूल्य- मीमांसा (Axiology) अशे दोन मुखेल विभाग जातात. पयल्या विभागांत ज्ञान विशयाच्या सगळ्या प्रस्नांचें विवेचन करतात. तातूंत मनीस, समाज, ज्ञान, सुख हांची समाजीक जीण लागीं आशिल्ल्यान कल्पनांचें आकलन समाजीक तत्वज्ञानाच्या शाखेंत करतात. मूल्य- मीमांसा शाखेंत समाजीक जिणेचीं शेवटचीं मूल्यां साध्य करून घेवपाचो उपाय घेतात. मानवी मूल्यांचें विवेचन समाजशास्त्रज्ञांक चड उपकारा पडटा. मनशाची समाजीक वागणूक हो समाजशास्त्राचो अध्ययन विशय आनी ही वागणूक मनशांनी मान्य केल्या. ती मूल्यांचेर आदारून आसता. तेन्नाच मनशांनी मान्य केल्ल्या मूल्यांची कल्पना घेतले बगर समाजीक वागणूक कळचीना. ते खातीर समाजशास्त्रज्ञांक मनशांच्या मूल्यांची समाजीक घटना वा वस्तुस्थिती  हांचें अध्ययन करचें पडटलें. सगळ्या समाजीक तत्वज्ञानाच्या मूल्यांची वळख जर समाजशास्त्रज्ञांक समजली जाल्यार विवक्षित मूल्यांचेर आदारिल्ली मनशाची समाजीक वागणूक समजपाक चड सोपें जाता.

तिसरी गजाल समाजशास्त्र तत्वज्ञानविषयक विचारांक प्रत्यक्षपणान चालना दिता. फामाद समाजशास्त्रज्ञ दुरखाइमच्या मता प्रमाण तत्वज्ञानविशयक प्रश्न उपस्थित करपाक दुस-या खंयच्याय विज्ञानापरस समाजशास्त्र चड उपकारा पडटा. कित्याक तर समाजशास्त्रीय विचार सहाजीक तत्वज्ञानविशयक विचारांत जाता. समाजाचें अध्ययन करतना समाजशास्त्रांत सहज तत्वज्ञानाच्या क्षेत्राचो विशय सुचता.[१७] समाज ही संज्ञा जेन्ना व्यापक अर्थान वापरतात तेन्नाच त्या संज्ञेंत मनशांचो परस्पर येतल्या प्रत्येक प्रकाराच्या स्थितीच्या संबंधांचो समावेश जाता.[१८]

## समाजशास्त्र आनी भुगोलीक परिस्थिती

भुगोलीक परिस्थितीचो समाजाचेर खर प्रभाव पडटा. भूगोल भुगोलीक परिस्थितीक संबंधीत आसता. समाजशास्त्रांत भुगोलीक दशांच्या सामाजांत कितें स्थान आसा, ताचो कितें प्रभाव पडटा? हाचें अध्ययन करतात. समाजशास्त्र आनी भूगोलाचो पारस्परिक संबंध वेगवेगळ्या क्षेत्रांत स्पश्ट करूं येता. भूगोलाच्या अंतर्गत प्रकृती पर्यावरणचें अध्ययन करतात. देखीक- उदक, वारो, तापक्रम, प्राकृतीक दशा आदि. समाजशास्त्रांत ह्या भुगोलीक दशांचो समाजीक जिणेचेर कितें प्रभाव पडटा हाचें अध्ययन करतात. तेच तरेन भुगोलीक परिस्थितिच्या बदलांत समाजीक जिण कशे तरेन प्रभावीत आसता, भुगोलीक परिस्थितिचो समाजीक जिणेचेर कितें प्रभाव पडटा हाचें अध्ययन करपाक समाजशास्त्रियांचो एक सम्प्रदाय अस्तित्वांत आयला. जांकां भुगोलीक विद्यालयाच्या नावान वळखतात. भुगोल राज्याचें अध्ययन करता जाका राजनैतिक भुगोल म्हणटात. मानव भुगोल मनशाचें अध्ययन करता. भुगोलांत लेगीत भुगोलीक दशांचें अध्ययन करतात. तें एक विशेश समाजीक विज्ञान आसा.[९९]

## नृतत्वशास्त्र आनी समाजशास्त्र

समाजशास्त्र आनी नृतत्वशास्त्राचो सामको लागींचो संबंध आसा. हाकाच लागून समाज निर्माण जालो म्हणल्यार कांय चूक न्हय. मनीस पृथ्वीचेर आयलो तेन्ना नृतत्वशास्त्र मनशाची पयली दशा कितें आशिल्ली हें सांगता. जनसमूह कसलो आशिल्लो, तांची जात कसली आसली, तांचे प्रकार कसले आसले. प्रकृतीक परिस्थिती शरीर विशेशतायांक कशे तरेन प्रभावीत करतात. तांच्या जिणेंत कशे तरेन बदल जातात. विज्ञानांतल्यान देश आनी काळाचेर असाधारण विजय प्राप्त करपाक मनशाच्या जिवनाक एकरूपता येवंक ना. मनशाचो वर्तमान जेन्ना समजूंक शकता तेन्नाच मनशांची सभ्यता आनी समाजीक जिणेचें ज्ञान आसता. विज्ञाना खातीर वर्तमानकाळांत वेगवेगळे जन समूह एकामेका कडेन लागीं आसले. जाल्यार लेगीत ताच्या समाजीक जिणेंत अंतर आसता. धारणा, रूढी, संस्था आनी प्रथा हांच्या जनसमूहांत वेगळेपण आसता. मनशांच्या वेगवेगळ्या जातींत जो भेद आसता तसोच तांची सभ्यता आनी संस्कृतींत भेद उत्पन्न जातात. नृतत्वशास्त्राचें तथ्य प्रस्तुत करतना ताचो समाजशास्त्रांत उपयोग जाता हें सगळें स्पश्ट करता. हाचोच समाजशास्त्रांत उपयोग जाता. फुडें विज्ञाना खातीर ह्या शास्त्रांत बदल जायत गेलो. संस्कृतींत, सभ्यतायेंत फरक आयलो.[१००]

## समाजशास्त्र आनी साहित्य

साहित्यकाराचो जिविताकडेन जेन्ना दाट संबंध येता तेन्नाच ताचे लिखणेंतल्यान जिवें तट्ट्टीत साहित्य भायर सरूंक पावता.[१०१] समाजांत जें घडटा तें साहित्य रूपांत उजवाडाक येता. दि सोशियोलॉजी ऑफ लिटरेचर म्हणल्यार साहित्याचें समाजशास्त्र. साहित्याचें समाजशास्त्र ह्या नांवा अंतर्गत विशेश शिकपाखातीर साहित्य वा समाजशास्त्र आसता. व्याकरणाच्या नेमा प्रमाण समाजशास्त्र आसा कित्याक तर साहित्य हांगा विशेशण आनी समाजशास्त्र मुख्य पद आसा. साहित्याचें लक्ष्य समाजशास्त्राचे सिद्धांत आनी साहित्याचें विवेचन जाता. साहित्य आपल्या व्यक्त वा मूर्त रूपांत रचना आसता. अव्यक्त रूपांत कृतिच्या फाटल्यान कृतिकाराचें व्यक्तित्व आनी कृतिकाराच्या व्यक्तीत्वा फाटल्यान ताचो समाजीक परिवेश आसता. साहित्याचें एक तोंक समाजीक परिवेशाबरोबर जोडिल्लें आसता.[१०२] कित्याक तर समाजांत ज्यो ब-यो वायट घडणूको घडटात त्यो साहित्यांत प्रतिबिंबीत जाल्ल्यो पळोवपाक मेळटात.

### १.५ समाजशास्त्राचे वेगवेगळे फांटे

समाजशास्त्र हें व्यापक क्षेत्र आसा. तातूंत बदलत्या समाजीक परिस्थितींचो विचार जायत आसता. मनशांचें आनी हेर मनशांकडेन येतल्या संबंधाचें अध्ययन हातूंत जाता. ते खातीर चडांत चड समाजीक अडचणींक समाजशास्त्राचो लागींचो संबंध येता. हे अडचणीचे प्रस्न विभागिल्ल्या स्वरूपांत आसतात आनी तांचे मनशांच्या समाजीक वागणूकीचेर परिस्थितिरूपान वेगळे परिणाम जातात. सगळ्या अडचणींचो एकठांय विचार करप कठीण थारता. मूळ समाजशास्त्राची बरोबरी करूंक शकता इतले समाजशास्त्राचे फांटे वाडल्यात. तातूंत जे मुखेल फांटे आसात त्या फाट्यांचेर उजवाड घालया.

## राजकीय समाजशास्त्र

समाजीक संघटनेचो एक घटक आशिल्ल्या राज्यसंस्थेची वेगवेगळी रचना वा कार्य हांचें अध्ययन राजकीय समाजशास्त्र करता. सत्तेचो उगम वा बदल अल्पजन सत्ताक राज्य Oligarchy स्थापना करपाची वाडटी प्रवृत्ती नेतृत्वाच्यो आदारभूत गजाली आनी राजकीय क्रांतीचें स्वरूप वा कारणां ह्या प्रस्नांचेर विवेचन करपाचो प्रयत्न राजकीय समाजशास्त्र करता. राज्यसंस्था वा समाज हांच्या परस्परसंबंधांचें विशेश अध्ययन करपाचेर राजकीय समाजशास्त्रांत भर दितात.

## औद्योगिक समाजशास्त्र

वेगवेगळ्या व्यवस्थांच्या अर्थीक आनी विशेश औद्योगिक संघटनांचें अध्ययन औद्योगिक समाजशास्त्रांत करतात. औद्योगिक क्षेत्रांत काम करतल्या संस्थांच्या स्वरूपांत पात्रांव वा कामगार हांचो परस्परसंबंध आनी ह्या दोघांचे राज्याकडेन संबंध विज्ञान वा तंत्रविज्ञान हांचे मानवी संबंधाचेर जातले परीणाम इतल्यांचेर औद्योगिक समाजशास्त्र बरोच उजवाड घालता.

## नगर समाजशास्त्र

मर्यादीत जाग्यांचेर लोकसंख्या केंद्रीत जाल्ल्यान निर्माण जावपी समाजीक वा अर्थीक प्रस्नांचें विशेश अध्ययन समाजशास्त्र करता. शहरांची वाड, शहरांची वा शहरी समाजांची रचना, शहरांचें खाशेलेपण वा तांच्या जिणेचेर जातले परीणाम, शहरी वृत्ती, शहरी वा ग्रामीण भाग हांचे संबंध ह्या संबंधांच्या प्रस्नांचेर नगर समाजशास्त्र लक्ष्य केंद्रीत करता.

## ग्रामीण समाजशास्त्र

ग्रामीण समाज हो शहरी समाजा परस सामको वेगळो वा खाशेल्या मोलाचो समाज थारता. ग्रामीण जीवनाच्या वेगवेगळ्या आंगांचो समाजीक संबंध, समाजीक प्रक्रिया, समाजीक समस्या, समाजीक संस्था हांच्यो चर्चा करून ग्रामीण समाजाच्या विकासाचे नेम ग्रामीण समाजशास्त्र करता. नगर वा ग्रामीण समाजशास्त्र ह्या शास्त्रांनी हालीं नेट घेतला आनी वाड जाल्या.[१०३] ए. आर. देसायान बरयल्ल्या प्रमाण ग्रामीण समाजशास्त्राचें मुख्य कार्य समाजा वांगडा संबंध दवरतल्या नेमांक पाळप, तांच्या प्रमाण संयुक्त राज्य अमेरीकेंत १८२० वर्सा ते १९२० वर्सा ग्रामीण साहित्य निर्माण जालें.[१०४]

## धर्मीक समाजशास्त्र

वास्तवीक नदरेंतल्यान पळयलें जाल्यार धर्माचो नेम, मनशाच्या हृदयांत वा मनांत घर करून आसता. इश्टाचे प्राप्ती खातीर आनी अनिश्टाचें निवारण करचे खातीर ज्या अलौकीक शक्तींची साधना करतात वा प्रार्थना करतात ताका धर्म म्हणूं येता.[१०५] धर्माची चर्चा जगांतल्या सगळ्या समाजांत तांच्या जल्मा सावन

सुरू जाल्या. पूण धर्मांतली आध्यात्म, ताची जीवन पद्धती, धर्मशास्त्र हांचें निरूपण खूब वर्सां फाटीं जालां.[१०६] प्रत्येक समाज व्यवस्थेंत कांय गजाली 'पवित्र' समजतात. ह्या पवित्र गजालींचो अभ्यास म्हणल्यार धर्माचें समाजशास्त्र. धर्माची उत्पत्ती समाजांतलो एकचाराचो भाव वा सहकार्य राखून दवरपाखातीर धर्म आपलें कार्य करता. धर्माचो हेर समाजीक संस्थांकडेन कसो संबंध येता वा समाज व्यवस्थेचें सातत्य कशें राखून दवरपक आवश्यक आशिल्लें, विचारपरंपरा धर्म कसो निर्माण करता ह्या प्रस्नांचेर विशेश लक्ष दिवंया. धर्म आनी समाज हांचो अध्ययनाक चडांत चड उपयोग आसा.[१०७] धर्माच्यो दोन भूमीका - एक मनशांक जगपाचें प्रयोजन शिकोवप. दुसरी राजकीय तत्व प्राणालींची जाग घेवप.[१०८]

## कुटुंबाचें समाजशास्त्र

वेगवेगळ्या समाजांतल्या कुटुंब संस्थेचें स्वरूप, इतिहास, रचना वा कार्याचें अध्ययन करतात. तशेंच कुटुंबांत जातल्या बदलांचें विवेचन करतात. वेस्टरमार्क, ब्रिफॉल्ट ह्या लेखकान ह्या विशयाचेर सुरवातेक केल्लें लिखाण चड काल्पनीक स्वरूपाचें Speculative आशिल्लें. पूण हालींच्या काळांत त्या विशयाचेर अनुभावाश्रित Empirical स्वरूपाचें संशोधन करपाची वृत्ती जाणवता.[१०९] वेगवेगळ्या राजकीय व्यवस्थेंतलें कुटुंबाचें स्थान, कुटूंब वा समाजीक स्तररचना हांचे संबंध, कुटुंबातल्या वांगड्याची जातली सत्तेची विभागणी, समाजीकरण वा व्यक्तिमत्वाची वाढ ह्या महत्वाच्या प्रक्रियेंत कुटुंबाचें कार्य, कौटुंबीक सुखाची कारणां, ह्या सगळ्या विशयांचेर अध्ययन करतात.

## अपराधविज्ञान

अपराध वा अपराधाची वागणूक हांचें पद्धतशीर अध्ययन म्हणल्यार अपराधविज्ञान जाता. हाचें अध्ययन कायद्याच्या आनी न्याय शास्त्राचो वा विधीशास्त्राचो Jurisprudence दृष्टिकोणांतल्यान करना. अपराधाच्या समाजद्रोही वागणूकेच्या विकासाची क्रिया कशी घडटा ह्या प्रस्नांचो विचार जीवशास्त्रीय वा मानसशास्त्रा मदल्या सिद्धांतांचेर आधारिल्लें आसता. अपराधाचें कारण सोदतना समाजीक परिस्थिती, संस्कृती-संघर्ष आनी विशेश संगती हाचेर विचार करतात. अपराध्याक शिक्षा करपाच्या वेगवेगळ्या मार्गांतल्यान मनशांच्या वागणूकेचेर जातलो परिणाम, समाजरचना आनी दण्ड निती हांचे परस्पर संबंध, अपराध्यांची सुधारणा वा पुनर्वसन हाचेर दण्डशास्त्रांत लक्ष केंद्रीत करतात.

## जीवशास्त्रीय समाजशास्त्र

जीवशास्त्र चड विकसीत जाल्लें आसलें तरी ह्या शाखेचें क्षेत्र विशाल आसा. वंशदायज, परिवर्तन, वरण (selection) आनी उपज (reproduction). ह्या प्रक्रियांचो मनशांच्या लोकसंखेचेर जातल्या परिणामांचें अध्ययन ह्या शाखेंत करतात. तशेंच मनशाचे वंश, वंशविशयींच्या सिद्धांन्तांचे समाजाचेर जातले परिणाम, जिणेच्या संघर्षांचे सिद्धान्त युद्धाचो संबंध आनी लोकविज्ञानाचे सिद्धान्त (Demographic Theories) विशेश लोकसंखेचो आकार आनी ताच्या खोलायेन जातल्या समाजीक परिणामांचें विवेचन करतात.

## शैक्षणिक समाजशास्त्र

समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान शैक्षणिक अडचणी सोडोवपाक शैक्षणिक समाजशास्त्राचो उपयोग जाता. शिक्षणाच्या प्रक्रियेची रचना वा गती, शिक्षणाचो व्यक्तिगत तत्वाचेर जाल्लो परीणाम, शिक्षणीक तत्वांचो उपयोग, ह्या नदरेंतल्यान शैक्षणीक समाजशास्त्रांत अध्ययन करतात.[११०]

## मनीसशास्त्रीय समाज

समाजीक घटनांच्या विवेचनांत मानसीक विचारांक महत्व आसा. समाजीक मानसशास्त्र ह्या मानसशास्त्राच्या शाखेंत ह्या शाखेचें बरेंच साम्य आसा. वयर दिल्ल्या महत्वाच्या शाखेभायर कायद्याचें समाजशास्त्र, कलेचें समाजशास्त्र, ज्ञानाचें समाजशास्त्र, समाजीक भुगोल, मानव परिस्थितीविज्ञान समाजीक संख्याशास्त्र ह्या शाखांचो आसपाव आसा आनी तांची वाड जायत आसा.[१११]

## लग्नाचें समाजशास्त्र

लग्न ही संस्था पुरातन काळांतल्यान चलत आसा. दादलो आनी बायलेच्या यौन संबंधांक मान्यताय दिवपी. वेगळ्या वेगळ्या समाजांत लग्नाच्यो संस्था आसात. वेळ आनी काळ बदलता तसो तातूंत बदल जायत आसा. लग्न म्हणटकच समाजांतल्या लोकांचे वेगळेच विचार आसतात. पाश्चात्य देशांत लग्न म्हणल्यार आपसांत समजणेचो करार. भारत देशांत लग्न म्हणल्यार निर्मळ आनी पवित्र धर्मीक संस्कार मानतात.

प्रेम विवाह ह्या संकल्पनेचेर समाजशास्त्रीयांनी अध्ययन करप गरजेचें आसा. प्रत्येक समाजाक लग्नाक पळोवपाची वेगळी नदर आसा. त्या नदरेंतल्यान लग्नाक समाजांत महत्व आसता.[११२]

## १.६ समाज आनी संस्कृती

समाज समजलो म्हण जायना. संस्कृती तितलीच महत्वाची आसा. देखून आमी समाज आनी संस्कृती जाणून घेवंया.

"संस्कृती" ह्या उतराचेर कितलेंय विवेचन कर. मुळांतच ह्या शब्दाची व्यापकता विशाल आसा. पूण ह्या संवसारांत सगळ्यांक लोक संस्कृती समजता पूण ते आप आपलेपरिन ताचो अर्थ लायतात.[११३] प्रत्येक मनीस आपल्याक समजपाक जाय तशी संस्कृती समजून घेता. कित्याक तर ह्या देशांत वेगवेगळे लोक रावतात. समाजांत संस्कृतीचो संबंध सामको लागींचो. एकाच नाण्याच्यो दोन बाजू म्हणल्यार लेगीत कांयच चूक जावची ना. लोक रावतल्या वाटाराक आमी समाज म्हणटात. जाल्यार ह्याच समाजाचो समाजीक प्रभाव संस्कृतीचेर जाता. त्या वाटारांत मागीर खंयचे लोक रावतात. ते गोरे वा काळे आसता. गरीब वा श्रीमंत आसता. तांचेर समाजांतल्या संस्कृतीचो प्रभाव जाल्लो आसता. मनीस आपूण कितलोय वेगळो म्हणूं, शेवटाक सगळे आमी मनीस आनी आमच्यांत कितें ना कितें तरी सारखेपण आसा म्हणून आमी एक. पाडकाच्या हांबेवपांत, सुकण्याच्या उडपांत, नुस्त्याच्या पेंवपांत कोण बदल हाडूंक शकना. संस्कृती ह्या उतराची विस्कटावणी पळोवया.

## संस्कृती

उत्पत्ती - संस्कृताय हें उतर संस्कृती ह्या संस्कृत उतराचें तद्‌भव रूप. संस्कृती हें उतर कृति (म्हणजे कर्तुप / वागप) ह्या उतराक संस्कार हो उपसर्ग लावन जाल्लें उतर.[११४], [११५], [११६] संस्कृती ह्या उतराचो योग्य असो अर्थ लावप शक्य जायना. कित्याक तर संस्कृती बदलत रावता.[११७], [११८], [११९] वामन शिवराम आप्टेन संस्कृत हिन्दी कोशांत तशें बरयल्लें आसा. "कृ" (धातु) त सम् प्रत्यय जोडून अर्थ जाता. मेळोवप, सम्मिश्रण करप, एका बराबर करप.[१२०] सम् +कृती म्हणजे संस्कार कृती असो जाता.[१२१] इंग्लीश भाशेंत संस्कृती चो अर्थ पळयल्यार culture म्हणल्यार संस्कृताय, सभ्यताय, बरी देख असो जाता.[१२२] जाल्यार

जर्मन भाशेचें उतर कुल्टूर आसा.[१२३] लैटिनान "कलचुरा" वा "कोलियर" उतर अशें जाता.[१२४] culture म्हणल्यार समाजांत जियेवपाची पद्धत.[१२५] मॅलिनॉव्हस्की- संस्कृती मानवनिर्मित आसता वा मानव तिचो वापर आपलें ध्येय साध्य करपाचें माध्यम म्हण करून घेता.[१२६],[१२७],[१२८] डॉ. रामधारी सिंह दिनकर संस्कृतीची सरळ परिभाशा दितना अशें म्हणटात- संस्कृती म्हणल्यार जियेवपाची एक पद्धत आनी ही पद्धत पयलीं काळा पासून चलत आयल्या. त्या समाजांत पसरता ज्या समाजांत आमी जल्म घेतात. आमचे जिणेंत जे संस्कार आमी एकटांय करून दवरतात तेच आमच्या संस्कृतीचें आंग जायत आसतात. पूण मरतकच मात बाकीच्या वस्तूं बरोबर आमची संस्कृतीक विरासत भुरग्यां खातीर सोडटात. म्हणून संस्कृती अशी वस्तू जी आमच्या जिणेक व्यापून आसा आनी जिची रचना-विकास करपाक चड जाणांच्या अणभवाचो हात आसा. इतलेंच न्हय तर संस्कृती जन्मा-जन्मापासून फाट सोडीना. कोणाचे कशे संस्कार आसता तसो ताचो पुनरजल्म जाता. संस्कार वा संस्कृती शरीराचो गूण नासून आत्म्याचो गूण आसता. पाश्चात्य विद्वान टेलर च्या मता प्रमाण संस्कृती अशे तरेची मिश्रित आनी पूर्ण व्यवस्था आसा जातूंत ज्ञान, विकास, नैतिकता हांचे सिद्धान्त, विधी-विधान, प्रथा वा हेर क्षमता आसतात.[१२९] डॉ. गुलाबराय प्रमाण संस्कृती उतराचो संबंध संस्कारांकडेन आसता जाचो अर्थ - संशोधन करप, उत्तम करप. संस्कृत उतराचो होच अर्थ आसा. संस्कार व्यक्तिचे आसतात आनी जातीचेय. पूण जातीय संस्कारांक संस्कृती म्हणूं येता. भाववाचक आशिल्ल्या कारणान संस्कृती एक समूह वाचक उतर आसा.[१३०] "मनशान निर्मिलिलें पदार्थमय जग आनी कल्पनामय जग म्हणल्यार संस्कृताय"[१३१] कालिका प्रसाद च्या प्रमाण संस्कृती म्हणल्यार "आचारगत परंपरा."[१३२] डॉ. इरावती कर्वे म्हणटात त्या प्रमाण "संस्कारपूर्ण वा संस्कारमय जीण जगपाची देशकाल विशिष्ट रीत (जीवनपध्दती वा जीवनमूल्यां) म्हणल्यार संस्कृती."[१३३],[१३४],[१३५] संस्कृती म्हणल्यार एक समाजीक प्रथा ती मागीर custom जावंक शकता. कित्याक तर custom म्हणल्यार रीत, रिवाज जाता. इंगलीश - कोंकणी शब्दकोशा प्रमाण रीत, रिवाज संस्कृतीचो भाग जाता.[१३६] तशें पळोवपाक गेल्यार आयचें युग हें morden वा ultramorden युग. पूण संस्कृती मात खंयच्याय मनशाचें वायट कांयच करना. वयल्यान संस्कृती मनशांची जीण स्मृध्द करता. संस्कृतीच्या घटकांचीं दोन रूपां मानल्यांत.

१) भौतिक वेव्हाराचें रूप - हें गिन्यान मनीस धरून सगळ्यांक आसा.

२) बुद्धिगम्य रूप - फक्त मनशाकच[१३७]

ई. बी. टायलर प्रिमिटिव कल्चर प्रमाण- संस्कृती म्हणल्यार कठीन समग्रता आसा. जातूंत ज्ञान, विश्वास, कला, आचार, कायदो, हेर क्षमता आनी संवंयांचो समावेश आसता, जांकां मनीस समाजाचो सदस्य आशिल्ल्यान प्राप्त करता.[१३८]

## संस्कृतीक महत्व

मनशांच्यो शारिरीक वा मानसीक आवश्यकतायो पूर्ण करतात.

- संस्कृती नैतिकता निर्धारित करता.
- संस्कृती मनशांच्यो अडचणी पयस करता.
- संस्कृती अनुभवांत आनी कार्य - कुशळतेंत आदार दिता.
- संस्कृती मनशांच्या संवंयांक निर्धारित करता.
- संस्कृती मनशांक आदर्श अशीं मूल्यां प्रदान करता.
- संस्कृती मनशांक जपता.
- संस्कृती समाजीकरण प्रक्रियेंत मदत करता.
- संस्कृती भूमिका निर्धारीत करता.[१३९]

संस्कृती टिकोवन दवरप हें प्रत्येक मनशाचें कर्तव्य संस्कृती ही संकल्पना  सामकी क्लिष्ट आसा. परंपरा, रीति-रीवाज, जीण सारपाची रीत, आहारविषयक संकल्पना, न्हेसप, इतिहास, संगीत, कला, जिणेचो दृष्टिकोण हे घटक मेळून संस्कृतिची निर्मिती जाता. संस्कृतीक मूल्यांच्या आधाराचेर विशिष्ट प्रकारचे संस्कार मनशाक आनी मोनजातीचेर करतात. त्याच संस्कार पद्धतींल्यान संस्कृतीचो समाजीक वारसो टिकून उरता.[१४०]

वेगवेगळे कोशाचे अर्थ पळयले. ज्या दिसाच्यान मनशाचो जल्म जालो त्या दिसाच्यान मनशाचें नातें संस्कृतीकडेन आसा. मागीर मनशाच्यो रावपाच्यो, खावपाच्यो तरा वेग वेगळ्यो आसतात. पुरातन काळाच्यान आतां मेरेन संस्कृतींत बदल जायत आसात. ह्यान फूडें जायत रावतले. समाजांत कितें वयर

सकयल जायना. लोक आपल्या संस्कृतीकडेन सदांच प्रामाणिक आसतात. संस्कृती समाजांत आनी समाज संस्कृतींत भर घालीत आसता. म्हणून संस्कृती आनी समाज सामके लागींचे आसात.

## संस्कृतींत दोन प्रकार आसात

फामाद समाजशास्त्री ऑगबर्न प्रमाण संस्कृतींत भौतिक आनी अभौतिक अशे दोन प्रकार आसात. भौतिक संस्कृती - हातूंत मनशांची निर्मीती आनी सगळ्या मूर्त आनी भौतिक वस्तुंचो समावेश आसता. पयलीं पासून मनशान सैमीक वस्तू वा शक्तींक सुधारून आमच्यो गरजो आमी भागोवंक शकतलीं अशो वस्तू. जांकां आमी हात लांवं येता. जांचो आमकां इद्रियांतल्यान आभास जाता. देखीक - मोटार, रेल्वे, कपडे, आयदनां, भवन, पूल, मशीन, उपकरण, कलात्मक वस्तू वा वाद्यां आदी. अशो आनी जायत्यो वस्तू आसात ज्यो आमकां दिसतात.

अभौतिक संस्कृती- आर. एम. मैकाइवर आनी जायत्या समाजशास्त्रज्ञांनी संस्कृती अंतर्गत फक्त अभौतिक तत्वाचो एकवट केला. पिट्रिम सोरोकिन अभौतिक संस्कृतीक 'भावात्मक संस्कृती' अशी संज्ञा दिल्या. अभौतिक संस्कृती तत्व म्हणल्यार जें अमूर्त आसा तें जाका कसलेंच मोल माप आसना. जाका आमी जाणून घेवंक शकतात अशें. रॉबर्ट बीरस्टीड हाणें अभौतिक संस्कृतीक विचारांक आसपावन घेतलां. हातूंत विचार, व्यवहार, प्रथा, रित-रिवाज, परंपरा, भाशा, साहित्य, विश्वास, नैतिकता, क्षमता, मनोवृत्ती, कायदो आनी ज्ञान पिळग्यान पिळग्यो चलत आसता.[१४१]

## १.७ संस्कृती आनी सभ्यता

सभ्यता म्हणल्यार Civilization[१४२],[१४३],[१४४] एच. पी. फेयरचाइल्डच्या म्हणण्या प्रमाण उच्च आनी विकसीत संस्कृतीक सभ्यता म्हणटात.[१४५] एस. पी श्रीवास्तव प्रमाण - संस्कृती आनी सभ्यता ह्या दोनूय शब्दांचो प्रयोग आनीक जायत्या अर्थांनी करूं येता. इंग्लीश भाशेंत ताचो कल्चर वा सिविलाइजेशन असो वापर जाता.[१४६] आचार्य हजारीप्रसाद द्विवेदी संस्कृती आनी सभ्यताय हांचेविशीं विचारांचेर उजवाड घालतात. समाजाच्या बाह्य व्यवस्थेचें नाव आसा, संस्कृती मनशांचो आंतरीक विकास आसा. दिनकर

संस्कृती आनी सभ्यतायेविशीं म्हणटात "संस्कृती सभ्यतायेची अपेक्षा वस्तू आसता. संस्कृती सभ्यताये भितर इतली व्याप्त वा एकजीव आसता जशें दूधांत धंय वा फूलांत सुगंध."[१४७]

आतां भर्तृहरी चो श्लोक पळोवया.[१४८] सभ्यताये कडच्यान मनीस सृजन जावन सक्षम जायत आसतात.[१४९] संस्कृती आनी सभ्यताय समजप चड गरजेचें आसा. संस्कृती आनी सभ्यताये खातीर ह्या संवसाराची उदरगत जाता. संस्कृती आनी सभ्यताय एक दिसली तरी तातूंत मातसो फरक आसा. संस्कृती ह्या उतरांत आचारविचार, तत्वज्ञान, साहित्य ह्या विशयांचो आसपाव जाता. सभ्यताय ह्या उतरांत भौतिक सुधारणा जातात. संस्कृती मनाची रूजवात करता तर सभ्यताय भौतिक वैभवाचो विचार करता. ह्या दोनूय संकल्पनांचो समन्वय आसलो जाल्यार मनशाच्या जिणे चो उत्कर्ष जाता अशें लेखक म्हणटा[१५०] रामचन्द्र वर्मा प्रमाण सभ्यताय म्हणल्यार सभ्य जावपाचो भाव वा शील आनी सज्जन जावपाची अवस्था वा भाव, बरेंपण[१५१], [१५२], [१५३] संस्कृती मनशाच्या आत्म्याचो विकास करता. सभ्यताय मनशाच्या भायल्या आंगाचो विकास करता.[१५४] संस्कृती आनी सभ्यताय परस्परांच्या विकासा खातीर पोशक आसता.[१५५] सभ्यताय मनशाचे बाह्यसृष्टीचो विकास करता.[१५६] भौतिक शक्तींचो नेम करून मनशाची प्रगती जाता. निसर्गाचो आपल्या सुखा खातीर वापर करप ही करणी सभ्यताय ह्या उतराक व्यक्त करूंक शकता. सभ्यताय म्हणल्यार उपभोगाच्या साधनांचो विकास. सभ्यतायेची प्रगती जाता म्हण संस्कृतीची प्रगती जातलीच अशें ना. तरी संस्कृती सभ्यताय विकासाक पोशक आसता. समाजीक भावनांचो आविश्कार करपाक, समाजीक जीवन समृध्द वा सुखी करपाक बाह्यसृश्टी आवश्यक आसता. बाह्यसृश्टीचो विकास करून भौतिक शक्तींच्या नेमान मनीस प्रगती करता. सैमाचो आपल्या सुखाखातीर वापर करप. मनशांची हीच करणी म्हणल्यार सभ्यताय.[१५७] संस्कृती सभ्यताय हीं दोनूय उतरां वेगळीं आसलीं तरी शास्त्रांत तांची एकता आसा. एडवर्ड टायलर हाणी संस्कृतींत सभ्यतायेचो आसपाव केला. तांच्या मता प्रमाण सभ्यताय ही संस्कृतिची उदरगतीची अवस्था आसा. प्राचीन काळांत संस्कृती आशिल्ली पूण सभ्यताय हें उतर प्रगती ह्या अर्थान वापरलां. मॅथ्यूव अरनॉल्ड प्रमाण संस्कृतीक सत्य, शिवम, सुंदरम. स्वता कोण आसा ह्या प्रस्नाचें उत्तर संस्कृती दिता, तर स्वताकडेन कितें आसा ह्या प्रस्नाचें उत्तर सभ्यताय दिता. सभ्यताय ही स्थलांतरक्षम आसता. सभ्यताय ही सदांच उन्नतीशील आसता. तशी समाजाच्या भौतिक विकासाचेर आधारून सभ्यताय आसता.[१५८] समाजांत संस्कृती आसा म्हणटकच संस्कृतींतल्यान कलेचो आस्पाव

जाता. रामचन्द्र वर्मा हांच्या प्रमाणिक हिन्दी कोश प्रमाण संस्कृतींत मन, रुचि आचार-विचार, कला-कौशल आनी सभ्यतायेचो बौध्दिक विकास येता.[१५९]

**सभ्यतायेच्यो विशेशतायो -** सभ्यतायेच्या अंन्तर्गत मानव निर्मीत भौतिक वस्तू एकटांय आसतात. सभ्यताय मानशाच्या गरजांच्या पूर्तीचें साधन आसा जातूंतल्यान मनीस संतुश्ट आनी आनंदीत जाता. सभ्यताय मूर्त आसता. सभ्यतायेक मापूंक शकनात. सभ्यताय संस्कृतीचो उच्च स्तर आसा. सभ्यताय सदांच गतिशील आसता. सभ्यतायेचो संबंध मनशांच्या बाहृय जिणेकडेन आसता. सभ्यताय प्रसारण योग्य आसता. सभ्यतायेचो निरंतर विकास जायत आसता. सभ्यतायेंत उपयोगीता आसता.

## संस्कृती आनी सभ्यतायेचो संबंध

संस्कृती आनी सभ्यतायेचें घनिश्ट नातें आसा. मैकाइवर आनी पेज हांणी संस्कृती आनी सभ्यतायेचो संबंध आसो दाखयला. सभ्यताय संस्कृतीची वाहक आसा- वेद, उपनीशद, रामायण आनी महाभारत आयज लेगीत भारतीय संस्कृतींत अमूल्य आसात. वैदिक विचार आज लेगीत जिते आसात हाचें मुख्य कारण आमची सभ्यताय.

- सभ्यताय संस्कृतीचो प्रचार करपाक आदार दिता
- सभ्यताय संस्कृतीचो सैम आसा
- संस्कृती, सभ्यतायेची दिशा निर्धारित करता
- सभ्यताय संस्कृतीच्या क्रियांक शक्ती दिता[१६०]

## १.८ संस्कृती आनी कला साहित्य

संस्कृती बगर कला अपूर्ण आसता. खंयचीय संस्कृती आसूं, ती कले बगर अर्दकुटी आसता. मनशाच्या जिणेंत लेगीत कला चडांत चड म्हत्वाची आसता. कलाच मनशाक जगपाक शिकयता. इंग्लीश भाशेंत कलेक 'आर्ट' हो शब्द वापरतात.[१६१],[१६२] कल- म्हणटकच कलेची संस्कृत पंडितानी व्युत्पत्ती दिल्या. कला म्हणल्यार सुंदर कोमल, मधुर वा सुख दिवपी. कल् - करप, वाजोवप, कड् - मदमस्त करपी, प्रसन्न

करपी, कम् - आनंद दिवपी ती कला. जो अर्थ दिला ताचे गूण साहित्याक लागू जातात. म्हणल्यार साहित्य एक कलाच जाली अशें म्हाका दिसता. पूण कला शब्दाचो आधुनीक अर्थान पयले फावट प्रयोग जालो तो भरताच्या नाट्यशास्त्रांत.[१६३],[१६४] भर्तृहरीच्या श्लोकांत साहित्याचो कलेकडच्यान स्वतंत्र उल्लेख केल्लो पळोवपाक मेळटा.[१६५] खरें म्हणल्यार कलेची सुरवात धर्मा कडच्यान जाता. भारतीय धर्म क्षेत्रांत आशिल्लीं देवळां आनी शिल्प हाका प्रमाण आसात. [१६६] डॉ. नगेंद्र प्रमाण- साहित्य एक प्रकारच्या कलात्मक विचारांचें नांव.[१६७] कलेचे चौसश्ट प्रकार सांगल्यात तातूंत पुस्तकवाचन हो एक प्रकार आसा.[१६८] Sociology of the Art ह्या पुस्तकांत table 1.1 Art म्हणल्यार Literature अशें म्हणलां आनी जायत्यो देखी दिल्यात.[१६९] कलेची परिभाषा करप तशें कठीण. पूण म्हाका जी परिभाषा सापडल्या ती अशी आसा.[१७०] अर्थ - कलावंत एखाद्या वस्तूच्या जाग्यार आपल्या आत्मस्वरुपाचो जो आविश्कार करता ताका कला म्हणूं येता.[१७१] अर्थ - ईश्वराच्या कर्तृत्वशक्तीचो आविश्कार आमकां पळोवपाक मेळटा तीच कला जाता.

प्लेटो प्रमाण -अनुकृतीची अनुकृती, ॲरिस्टॉटल प्रमाण - अनुकरण, क्रोचे प्रमाण - कला ही बाह्य प्रभावाची अभिव्यक्ती.[१७२] भारतीय कलेचो इतिहास वैदिक काळापासून सुरू आशिल्लो. वैदिक साहित्यांत कलेचीं लक्षणां दिसतात. त्याच प्रमाण कलेसंबंधीत विचार लागीं येताले. पूण कलाकृती मात उपलब्द नाशिल्ल्यो.[१७३] जी. वी. प्लेखानोन (१८५७-१९१०) "कला और सामाजिक जीवन" हातूंत कलेक समाजीक जीवन मानतात. तांच्या मता प्रमाण कला एक समाजीक घटना आसा.[१७४] मार्क्सवादी विचारा प्रमाण कला समाजीक चेतनांचें एक रूप आसा. समाजांत दिसतली प्रत्येक सुंदर वस्त कला आसता आनी त्याच आदाराचेर कलेचे दोन गट केल्यात. १) उपयोगी कला २) ललित कला

उपयोगी कला मनशाची दैनिक आनी अर्थीक प्रगती करता. देखीक - शेट, लोखणवालो आनी मेस्त. ललित कलेंत वास्तुकला, चित्रकला, संगीतकला आनी काव्यकला हांचो आस्पाव जाता.[१७५]

## १.९ साहित्य आनी समाजाचो परस्पर संबंध

समाजांत जें घडटा ताचें पडबिंब साहित्यांत आमकां पळोवपाक मेळटा. पूण मार्क्सवादी सिद्धांतांच्या प्रमाण समाजीक अस्तित्व ही मनशांच्या चेतनेक निर्धारित करता आनी साहित्याचो संबंध, समाजीक चेतना वा

मानवीय संवेदनांतल्यान जाता. मागीर संवेदना युगीन परिस्थितींतल्यान तथ्यां वा घटनांक प्रभावित करतात. अशे तरेन युग जिणेंत घटीत जाल्लें परिवर्तन मानवीय संवेदनांक प्रभावित करता.[१७६] डॉ रामविलास शर्मा प्रमाण - साहित्याची रोपी आमच्या समाजीक जिणेच्या जमनीर किल्लता.[१७७] साहित्य आनी समाजाचो संबंध स्थापित करपाक जैनेन्द्रकुमार म्हणटात साहित्य चडांत चड व्यक्तिगत जायत चल्लां. पयलीं तें अपेक्षाकृत समाजामजगत आसा. समाजाची नीती अनीतीची मान्यताय जशाक तशी स्वीकृतीचें साहित्यांत पडबिंब दिसता. आतां त्याच साहित्यांत समाजाच्या त्या स्वीकृत आनी निर्णीत धारणांच्या प्रती व्यक्तीचो विरोध आनी विद्रोह चड दिसत आसा. शेवटाक अशें म्हणूंक जाता -साहित्यांत पयलीं पडबिंबित समाजीक व्यवस्थेक आपल्यांत बिंब पडबिंबित भावांतल्यान धारणा करतली वस्त आशिल्ली.[१७८] साहित्य आनी समाजाच्या नात्याचेर उलयतना विद्यानिवास मिश्र म्हणटात - समाज आनी साहित्या मदीं एक वेगळेंच नातें आसा. तांचें एकामेकाबगर काम जायना. ते एकामेकापासून निरपेक्ष जावपाक सोदतात. साहित्य समाजा खातीर आसता पूण समाज साहित्याच्या नेमान रावपाक सोदना. हेच तरेन साहित्य समाजीक संप्रेक्षणा बगर अस्तित्व दवरना. साहित्य समाजीक व्यवस्थेक प्रस्नचिन्न लायत आसता. त्याच विसंगतीन मनशाच्या व्यक्तित्वाक मारीत आसता. लेखकाक हो अणभव त्याच समाजाकडेन वांटपाक जाय ज्या समाजांत ती व्यवस्था आसा. तो साहित्य रचतना ही जोखीम घेता. घडये समाजाक तें आवडचेंना, समाजाक एकदम विध्वंसक लागूंक शकता.[१७९,१८०,१८१] डॉ. वी. डी. गुप्ता प्रमाण- लेखक हो एक समाजीक प्राणी. ताचें समाजीकरण, निर्मणी आनी अस्तित्व समाजाचेर आदारून आसता. ताच्या प्रकटीकरणातल्यांन समाजाचें दर्शन घडटा.

समाजांत रावन तो आपली स्थिती आपणायता वा त्या स्थितीक जाय तशी आपली भूमिका तयार करता. मनीस आसून तो समाजाकडेन संदांच एकरूप रावता. साहित्यकार आपल्या काळाची उपज आसता. ताच्या काळाची समाजीक, धर्मीक वा राजकारणी परिस्थिती ताच्या व्यक्तित्वाची निर्मीती करता. तो ज्या वातावरणांत रावता त्या वातावरणाचो प्रभाव ताच्या दृश्टिकोणाचेर आनी जिणेच्या दर्शनाचेर पडटा. हे खातीर एकाच काळाच्या साहित्यकाराच्या दृश्टिकोणांत अंतर दिसता. ज्या मनशाक तो मेळटा त्या मनशांचो प्रभाव ताच्या मस्तिष्काचेर पडटा. सांगपाचें तात्पर्य म्हणल्यार साहित्यकार समाजांत रावता.[१८२] गोल्डमन प्रमाण समाजीक संरचना बदलतकच विश्वदृष्टिची संरचना बदलता, आनी समाजीक संरचनेच्या वा विश्वदृष्टिच्या संरचनांच्या परिवर्तनांतल्यान साहित्य संरचनांच्या परिवर्तनाच्या प्रक्रियेंत तेज येता.[१८३]

साहित्यविचार आनी समाजचिंतन ह्या ग्रंथांत 'साहित्य' साहित्यिक व समाज ह्या आपल्या लेखांत, प्रा. स. शि. भावे हांच्या प्रमाण साहित्य म्हणजे भाषेच्या माध्यमाने केलेली कलानिर्मिती, साहित्यिक म्हणजे कलानिर्मिती क्षमता असलेली व कलानिर्मिती करणारी व्यक्ती आणि समाज म्हणजे पारंपारिक व नव्याने निर्माण होणा-या हितसंबंधाच्या संदर्भात एकत्र आलेला व एकत्र राहणारा मानवसमूह.[१८४] साहित्य आनी समाज हांचें नातें भूंय आनी झाडां इतलें घनिश्ट आसा. पूण साहित्य हें मनशाच्या जिणेच्या सयत वाचचें लागता देखून साहित्याचें पयलें नातें जिणेकडेन आसचें पडटा. पर्थून जिणेचें वा मनशाचें नातें लेगीत आदीं भूंयेकडेन आसता देखून मनीस, हेर जीवसृष्टीचें अंतपार नाशिल्लें अंतर्मन... उमाळे आनी हावेस, हीणपण आनी व्हडपण, प्रकृतीकडेन संघर्श करून संस्कृती घडोवपाचो ताचो ध्यास, ताच्यो विकृती ह्या सगळ्यांचें पडबिंब साहित्यांत पडपाची गरज आसा. हे खातीर[१८५] साहित्यकृतींत वा हेर खंयच्याय कलाकृतींत सौंदर्य आसलें, कलात्मकता आसली, जाल्यार ती शुद्ध मानसिक आनंद दिवंक शकता. जितलें सौंदर्य चड तितली कलाकृतीची शुद्ध मानसीक आनंद दिवपाची तांक चड आसता. ह्या सौंदर्या वयल्यानच कलाकृतीचें मोल जोखतात. साहित्य कृतीचो फॉर्म म्हणल्यार साहित्य कृतीचें तंत्र, रचना आनी शैली ह्या भायल्या आंगांचेर हें सौंदर्य अवलंबून आसना. साहित्य कृतींत आशयांत, तातुंतल्या अणभव विश्वांतय तें पळोवंक मेळटा. म्हणटकच साहित्याची पारखणी करतना आकारांतलेंच सौंदर्या पळयना, जाल्यार साहित्यकृतीच्या आशयांतलें म्हणल्यार तातूंतल्यान प्रगट जाल्ल्या जिवनचित्रांतलें सौंदर्य पारखून साहित्य कृतीचें मोल थारता.[१८६] कसलेय प्रकारचें साहित्य वाचतना वाचप्याक साहित्यांत निवळ समाज दिश्टी पडटा. म्हणटकच साहित्य हें समाजाचें पडबिंब काय? हाचेर विचार करचो पडटलो. साहित्याचो समाजाचेर सकारात्मक वा नकारात्मक प्रभाव पडटा हाचें परीक्षण समाजशास्त्रीय अध्ययनांतल्यान जाता.[१८७] साहित्यीक सूत्र[१८८] जो नवी निर्मणी करतलो तो वांचतलो.[१८९] काका कालेलकर प्रमाण जे विचार अणभव वा कल्पना वाक्यांत ग्रंथीत जावं येतात, तें साहित्य ज्या शब्द समूहांतल्यान कांय प्रमाणांत अर्थ येता ताका साहित्य म्हणूं येता.[१९०] आचार्य रामचन्द्र प्रमाण - [१९१], [१९२] ज्ञानाच्या संचित कोशाक साहित्य म्हणटात. अरबी भाशेंत साहित्याचो अर्थ आदर, सम्मान, नम्रता आनी शिश्टाचार. साहित्यांत शिश्टताय आशिल्ल्यान साहित्याक आदर वा सम्मान म्हणटात. साहित्य साहित्यकार आनी मनीस हांचो सदांच अतूट संबंध आसता. देखून साहित्य, साहित्यकाराच्या काळजांतल्यान आनी विचारांतल्यान जाल्लो कलात्मक अविश्कार, जातूंत मनीस कुळयेचें हित सांबाळटात. मुक्तिबोध प्रमाण खंयच्याय साहित्याक तीन तरेन पळोवपाक जाय. १) खंयच्या वास्तवतायेंतल्यान तें परिणामस्वरूप साहित्य उत्पन्न जाल्लें आसा. २) तातूंतल्यान कितें फलीत जांव येता.

३) ताची प्रकृती, रूप आनी रचना पळोवप. अशे नदरेंतल्यान साहित्याचो नियाळ घेवं येता.[१९३] जे तरेन साहित्य समाजांत रावता, समाजाचें आंग जावन रावता, समाजाचें रूप निर्धारण करता आनी स्वता तातूंत निर्धारीत जाता, हे खातीर आमी जागृत रावपाक जाय.[१९४] कृती आनी बाह्य यथार्थ आंतरीक संबंधांचो परस्पर प्रभाव आनी परिक्षण म्हणल्यार साहित्याचो समाजशास्त्रीय शोध.[१९५] साहित्याचें मूळ समान जिणेचो अणभव आसा. ह्या जिणेंतल्या प्रवाहांतले राजकी, समाजीक, सांस्कृतीक अणभव संवसारांतल्यान पासार जावन साहित्याचे रचनेंत आपलें रूप धारण करतात. हेंच साहित्य मनशांच्या जिणेंतले सामके कठीण अणभव सोंसता आनी साहित्यांत अभिव्यक्त करता. साहित्यकार आपल्या सृजनात्मक प्रक्रियेंतल्यान साहित्य रचता. साहित्यकार समाजाच्या बदलत्या जिणेचो दृश्टीकोण आत्मसात करता. ताचो निश्चीत परीणाम ताच्या कालाकृतीच्या संवसारार नदरेक पडटा.[१९६] डॉ विश्वंभरनाथ उपाध्याय आपल्या "साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन" ह्या निबंधांत अशें बरयतात "अत एव साहित्य के समाजशास्त्र के बिना साहित्य का शिक्षण प्रशिक्षण, आस्वादन और मूल्यांकन गतानुगतिक, अनुर्वर और ज़ड बना रहेगा। इसलिए साहित्य के विभागों के पाठ्यक्रमों में साहित्य के समाजशास्त्र की व्यवस्था करना आवश्यक है।"[१९७]

रघुवीर सहाय प्रमाण अशे तरेचें साहित्य जें मनाक घायाळ करता, जें कलापरक वा वस्तुपरक आनी यथार्थाच्या जमनीर उबें आशिल्लेंच खरें साहित्य आसा.[१९८,१९९] म्हणल्यार जंय सहिता चो भाव आसता ताका साहित्य म्हणटात. इतलेंच न्हय तर साहित्याक ज्ञान विज्ञानाचो संचित कोश म्हणटात आनी खंयचेय विद्येची, कलेची, शिल्पाची वा अशें खंयचेंच ज्ञान ना जाची व्याख्या साहित्या बगर जांव येता.[२००] आचार्य भोज प्रमाण - शब्द आनी अर्थाच्या संबंधाक साहित्य मानला.[२०१,२०२] खंयची भाशा वा देशांतले ग्रंथ लोक हांचो समूह जातूंत कायम स्वरूपी उंचेल्या पांवड्यावेलें गूढ विशयांच्या सुंदर रूपाचें स्पश्टीकरण आसता. साहित्याचीं तत्वां अशीं आसात.

१) **भावतत्व** - साहित्यीक तत्वांत भावतत्वाक चडांत चड महत्व दिलां. साहित्याचो आत्मो भाव आसता.

२) **बुद्धितत्व** - बुद्धितत्वांत विचारांक प्रधान्य आसता.

३) **कल्पनातत्व** - कल्पना अशे तरेची मानसीक शक्ती, जी अप्रत्यक्षाक मस्तिष्कांत प्रत्यक्ष करता. मेक्डुगल प्रमाण[२०३] कल्पना अप्रत्यक्ष वस्तुच्या संबंधांत चिंतन मनन आसा.

४) **शैलीतत्व-** शैली तत्वाचो संबंध कला पक्षाकडेन आसा. साहित्यकाराकडेन कितलोय भाव वा कितलीय कल्पना आसूं पूण शैली तत्वा बगर तो साहित्यकार अपूर्ण उरता. भाव सुन्दर आसूं, रचनाबद्ध वा चमत्कार पूर्ण आसना. हें सगळें शैलीचेर आदारून आसता. साहित्य सत्यम्, शिवंम्, तशेंच सुंदरम् आसा. हातूंतलें शैली तत्व साहित्याक सुंदरम् करता.[२०४] समाज अस्तित्वांत येता तेन्नाच समाज घटनेचे संबंध सुरू जातात. कारण समाजाच्या अस्तित्वाबरोबर एक व्यवस्था निर्माण जाता. ही व्यवस्था समाज घटकांच्या परस्पर संबंधांक कारण थारता. तेच तरेन ती समाज घटकांच्यो आवश्यक गरजो निर्माण करता. तांकांच आमी एका अर्थी समाजीक व्यवस्था म्हणटात. ही व्यवस्था परिवर्तनीय आसता. कित्याक तर समाज घटकांच्या संबंधांचें वा गरजांचें स्वरूप बदलूंक शकता वा बदलपाची शक्यताय आसता. देखून समाजीक व्यवस्थेंत बदल जायत आसता. एका व्यवस्थेच्या जाग्यार दुसरी व्यवस्था येता वा एका व्यवस्थेंतल्यान दुसरी उंचेली व्यवस्था येता. जैवशास्त्रीय सिद्धान्तानुसार बियेंतल्यान वृक्ष निर्माण जाता. तेन्ना त्या विकसनशील प्रक्रियेंत अवस्थां भितर अंतर आसता. समाजीक विकासांत लेगीत अवस्थां भितर अंतर अपरिहार्य आसता. देखीक - सरंजामशाहींतल्यान भांडवलशाही वाडटा, अशें प्रतिपादन मार्क्सान केल्लें. मार्क्साच्या सिध्दांता प्रमाण उत्पादक साधनांक अनुशंगान वा उत्पादक साधनांच्या परिणामांत हो बदल दिसून येता. तेच खातीर मार्क्सान उत्पादक साधनां, तांची मालकी, तांचो विनिमय, उत्पादीत वस्तूंचो उपभोग हातूंतल्यान शास्त्रीय सिद्धांत मांडला. मार्क्साच्या तत्वज्ञानांत हे सिद्धांत महत्वाचे आसात. कित्याक तर सामाजीक, अर्थीक व्यवस्था मूलभूत आनी प्राथमीक महत्वाची आसता, अशें मार्क्साचें प्रतिपादन आसा. तेच परावृत्ती सिद्धांता प्रमाण[२०५] ह्या सगळ्या गजालींकडेन मानवीय ज्ञानाचो सापेक्ष संबंध आसता. सृष्टी, समाज आनी व्यक्ती हे मानवीय ज्ञानाचे विशय आसात.[२०६] तेच तरेन मार्क्साचो सिद्धांत[२०७] अर्थीक संबंध ही मूळावी जीवन व्यवस्था. जीवन व्यवहाराच्या समाजीक, राजकीय, धर्मीक ह्यो वेवस्था मूळाव्या व्यवस्थेच्यो आदारीत रचना. अर्थीक रचनेंत बदल जातकच आदारीत रचनांत बदल जाता.[२०८] साहित्यांतल्यान दिसपी समाजीक ज्ञान हें संकल्पनात्मक ज्ञान. (Logical Knowledge) तें अनुभावाधिष्ठित ज्ञान आसना. (Empirical Knowledge). मार्क्सान आपल्या शास्त्रीय ग्रंथांत संकल्पनात्मक ज्ञानाचें विवेचन केल्लें आसलें तरी ताणी अनुभवाच्या नदरेंतल्यान ज्ञानाचो सदांच आधार घेतला.[२०९] खंयच्याय साहित्यकाराक सगळ्यांत पयलीं तोंड दिवचें पडटा तें अर्थीक अडचणींक. हे खातीर ताच्या साहित्याचो फावोसो विकास जायना. लेखना भायर लेखकाक जिणेच्या हेर साधनांचेर आदारून रावचें पडटा. आनी ह्या साधनांकडेन लेखकाक सामको विवश जावचो पडटा. आनी ह्यो अडचणी

लेखकाची कमर मोडून उडयतात, सामको बागयतात. पूण लेखकाक त्यो अचडणी आव्हान जावन पडटात. हेर कांय धंदो वा नेकरी नाशिल्ल्यान आपल्या पोटाचो प्रस्न सोडोवपाखातीर लेखक अशे तरेन बरोवपाक लागता की ताच्या बरपाची पत देंवता. हाचें मूळ कारण म्हणल्यार वाचपी आनी प्रकाशक. तांकां पुस्तकां विकत घेवपाक नाकात. सगळ्यांत पयलीं वाचपी कतें करतात तें पळोवया. कोणाक जर पुस्तक वाचपाची गरज जाली जाल्यार पुस्तक विकत घेवपाच्या बदला पुस्तक उश्णें घेवन वाचतात. अशे तरेन पुस्तकां खपपाक वेळ वता आनी कांय पुस्तकां तर कमीच वा कमी मोलान खपतात. पूण चडशीं पुस्तकां ग्रंथालयांखातीर खपतात. बाकीचे सगळे वाचपी एकामेका कडच्यान मागून घेवन वाचतात. मागीर प्रकाशक फाव तशी येवजण वा फाव तशे पयशे नाशिल्ल्या करणान ताचीं पुस्तकां खपनात. अशेतरेन एक लेखक पुराय स्वरूपांत लेखक म्हूण आपली जीण सारूंक शकना.[२१०] साहित्य आपल्या व्यक्त रूपांत साहित्यकार वा रचनाकार, साहित्य कृती आनी साहित्याचो वाचक वर्गाचो त्रिकोण आसा. ज्या समाजीक संदर्भाचो आदार करून आनी ज्या विशेश समाजीक परिस्थितींत साहित्य कृती रचना प्रक्रिया पूर्ण जाता, तो कृतीचो समाजीक परिवेश आसता. तशें पळोवपाक गेल्यार रचनाकार आनी कृतीचे समाजीक परिवेशाचे संबंध घनीश्ठ आसतात पूण दोनूय सदांच एक आसनात. केन्ना केन्ना कृतीची रचना प्रक्रिया असल्या परिस्थिंतल्यान वतात तेन्ना रचनाकार सामान्य परिस्थिंतीतल्यापरस भिन्न आसता. तिसरो समाजीक परिवेश आसा तो उपभोगप्यांचो वा वाचक जो रचनाकार आनी कृतीच्या परिवेशांतल्यान भिन्न आसता.[२११],[२१२],[२१३] साहित्याचे नवे धारणेच्या परिवर्तन आनी विकासांत समाजीक विकास प्रक्रिये अंतरगत महत्वपूर्ण भूमिका आसता. देखीक - जातीय आनी राष्ट्रीय साहित्याचे धारणे खातीर जातीय साहित्याच्या धारणेच्या विकासाखातीर जातीय साहित्याचो विकास गरजेचो आसता. हे खातीर जातीय भाशेची निर्मणी आनी जातीय भाशा एकठांय हाडचे खातीर अर्थीक समाजीक प्रक्रिया गरजेची आसता.[२१४] साहित्याच्या समाजशास्त्राक समजून घेवचे खातीर ह्यो गजाली महत्वाच्यो थारतात.

## १.९.१ साहित्यांत समाजाचो सोद

साहित्यांत समाजशास्त्राचो मुखेल उद्देश म्हणल्यार समाजाकडेन आशिल्लो साहित्याचो संबंध. साहित्याचें समाजशास्त्राचे नदरेंतल्यान विवेचन करपी दोन तरा आसात. पयली जी समाजाक समजावपाक साहित्याचो उपयोग करता. दुसरी साहित्य समजपाक समाजशास्त्रीय दृश्टीकोण आपणायता. साहित्यीक रचना एक समाजीक कर्म आसता आनी कृती समाजीक उत्पादन आसता. साहित्याची रचना मनीस करता. हे खातीर

समाजांतल्यान साहित्याचो संबंध समजपाक समाजांतल्यान रचनाकार मनशांकडले इतिहासीक संबंध समजप गरजेचें जाता.[२१५] लेखक भोंवतणच्या समाजीक वातावरणांतल्यान आपल्या व्यक्ति वैशिष्ट्यानुसार जे संस्कार भोंवतणच्या वातावरणांतल्यान वास्तव वा वास्तवीकतेंतली घटना प्राप्त करतात तेच तांच्या प्रक्रियेंतल्यान व्यक्त जातात.[२१६] समाजवास्तव ही एक गतीमान प्रक्रिया आसता. साहित्य स्वभावताच समाजाभिमुख आसता. पूण श्रेष्ठ लेखकांच्या साहित्यांत समाजाचें स्थिरचित्रण असना. तरी लेगीत तातूंतल्यान समाजाच्या परिवर्तनाचें दर्शन घडूं येता.[२१७] साहित्याच्या समाजशास्त्राची परंपरा चड पोन्नी न्हय तरी लेगीत, एच. तेन, लावेन्थल, मार्क्स, लुकाच, लुसिएं गोल्डमन, रेमण्ड विलियम्स, एलन स्विंगवुड, माइकेल जेराफ रावर्ट ऍस्कारपिट ह्या विचारवंतांनी साहित्य आनी समाजशास्त्रीय विश्लेशणाचो आधार प्रदान करपाच्या दिशेंत पावल घातलें.[२१८] आमचेकडेन भरतमुनींच्या नाट्यशास्त्रांत जो लोक धर्माचो आनी उल्लेख वा नाटका अंतरगत जो लोकवृत्तानुकरण अशा तरेची कल्पना साहित्य आनी समाजाची कल्पना सुचयता.[२१९] हाचो अर्थ असो जाता आमचेकडेन लेगीत त्या काळार विचार जाल्लो पूण त्या विचाराची पारखणी जावूंक नासली. साहित्य आनी समाजाचो संबंध सामको लागणूकेचो आसा ताचेर कोणाचो मतभेद ना. चिंतकांचो एक वर्ग आसो आसा जो साहित्य स्वायत्त सत्तेंत विश्वास करतना असो दावो करता, म्हणजे साहित्याचे हक्क खंयच्याय एका मनशा कडेन बांदिल्ले नात तशेंच ते विचारवंतांकडेन बांदिल्ले नात. पूण साहित्याचे समाजशास्त्रीय व्याख्याकार ह्या अवधारणेक एक स्पश्ट समाजीक संदर्भ मानतात. तांचें निश्चित मत आसा की ह्या तरेच्या अवधारणांच्या विकासा खातीर विशेश समाजीक परिस्थिती जबाबदार थारता. वास्तविक रूपान कला आनी समाजाच्या परस्पर संबंधांक पयसावप शक्य जायना, कित्याक तर कला स्वता एक समाजीक घटना आसा.

१) कलाकाराची मूळ अनुभूती कितलीय व्यक्तीगत वा वेगळी आसा तरी लेगीत कलाकार एक सामाजीक प्राणी आसा.

२) प्रत्येक कलाकृतीचेर रचनाकाराची मूळ अनुभूती कितलीय खोल आसा, ताचें मूर्त रूप कितलेंय वेगळें आसा, तरी लेगीत कलाकार वा समाजाच्या हेरां बरोबर एक संपर्क सेतू आसता.

३) कलाकाराच्या रचनेकडल्यान हेर व्यक्ती प्रभावीत जातात आनी तांकां मागीर आपल्या विचारांक, उद्देशांक, वा मूल्यांचेर पुनर्विचार करपाक आदार मेळटा.

प्रत्येक कलाकृतींत एक प्रकारची समाजीक शक्ती आसता तातूंतल्यान मागीर जनमानसाचीं आंदोलनां करीत आसतात. अशे तरेन कला आनी समाजांत गरजेचो संबंध आसता. खंयचीय कला समाजाच्या प्रभावा कडल्यान  मूक्त रावंक शकना. पूण साहित्य आनी समाजाचो गरजेचो संबंध सरळ नासून तो अनिश्चित वा कठीण आसता.

साहित्याच्या समाजशास्त्रीय अभ्यासकांनी हाचीं दोन कारणां सांगल्यांत. पयलें कारण इतिहासीक आसा कलाकार आनी समाजाचो एक दूस-याविशीं दृष्टिकोण बदलत आसता. जे तरेन समाजांत रावन कलाकार कलेची निर्मणी करता, आपल्या मूळ आदर्श वा परंपरां बरोबर बदलत आसता, तेच तरेन भौतिक अस्तित्वाचो संबंध जित्या मनशाडेन आशिल्ल्यान कलाकार बदलत रावता. पूण साहित्य आनी समाजाचे परस्पर संबंध इतिहासा बरोबर बदलत रावतात.[२२०, २२१, २२२] साहित्याच्या समाजशास्त्रीय व्याख्यात्याची जापसालदारकी लेखकाचे काल्पनीक पात्रांचे आनी घडणूकांचो इतिहासीक पृश्टभूमीबरोबर संबंध जुळोवप आनी विशयांचे आनी शैलीचो समतोल व्यक्तीगत समीकरणाच्या समाजीक समीकरणांत बदलप वा घडवप.

धीरेन्द्र वर्मा, हिन्दी साहित्य कोशांत साहित्याविशीं कितें म्हणटात तें पळोवया.[२२३] साहित्य ही परीभाषा व्यापक आसा. तातूंत मनशाच्या सगळ्या भावनांचो समावेश जाता. तशें साहित्यांत सगळ्या ग्रंथांच्या पुंज्यांचो आसपाव जाता. प्राचीन काळांत साहित्य उतराचो 'शास्त्रा' खातीर प्रयोग करताले पूण मागीर 'काव्या' खातीर ताचो प्रयोग जावपाक लागलो.[२२४]

## १.९.२ साहित्य प्रक्रियेचे तीन पक्ष आसात

लेखक, रचना (कृती) आनी वाचपी. साहित्य आनी समाजा मदीं लेखकाचें व्यक्तित्व महत्वपूर्ण आसता. साहित्य रचनेच्या प्रक्रियेंत समाज लेखक आनी साहित्य परस्पर एक दूस-याकडेन प्रभावीत आसतात, पूण समाजाकडल्यान लेखक, लेखकाकडल्यान साहित्य, साहित्याकडल्यान समाज आनी आधुनीक युगाचो साहित्यांत जाल्लो बदल. देखीक राजकारणाचो साहित्याचेर जाल्लो प्रभाव. समाजांत तशीं हेर तत्वां आसतात जीं लेखकाक प्रभावीत करतात. जीं मागीर साहित्य समाजशास्त्राचो विशय जातात.[२२५] साहित्याचो जेन्ना व्यव्हारीक नदरेन विचार करतात तेन्ना लेखक, कलाकृती आनी वाचक हे घटक महत्वपूर्ण थारतात.[२२६] तेच तरेन समाजशास्त्रीय समीक्षेच्या नदरेंतल्यान ह्या घटकांचें अध्ययन गरजेचें थारता.

- वाचप्याच्या अभिरूचीचें सर्वेक्षण. (आवडीचें संशोधन)

- प्रकाशन वा मुद्रण व्यवसायांचें स्वरूप आनी  रोयल्टीचें स्वरूप.

- ग्रंथालयाचें स्वरूप वा ताचें साहित्यीक कार्य.

- पुस्तकांची वितरणेची पद्धत.

- ठारावीक वर्सांत प्रसिद्ध जाल्ल्या पुस्तकांची परिगणना वा तांचें वर्गीकरण गरजेचें.

- साहित्य आनी शासनव्यवस्थेचे संबंध गरजेचे.

-लेखकांच्या जाती प्रमाण वा वर्गाप्रमाण वर्गीकरण गरजेचें.[२२७]

समाजीक मूल्य  समाजांत रित-रिवाज, कर्तव्य, आपलेपण, कोणाक आदार करप, परोपकारी जावप, एक दूस-याचो छळ करपाक जायना. नैतीक व्यवहार करपाक जाय. समाजीक मूल्य कल्याणवादी आसता. समाजीक मूल्य समाजाक केंद्रांत दवरून चलता. व्यक्तिचें हित समूहाच्या हितांत आसता. नैतीक मूल्या बरोबर समाजीक मूल्याचो घनिश्ट संबंध आसता. समाजाची स्थिती बदलत आसता. कर्तव्य वा उचीत अनुचीत विचांरांचें केंद्र आसता. आचार विचार अस्थिरतेचो स्विकार करना.[२२८, २२९, २३०]

## १.९.३ साहित्यिक मूल्य

साहित्य म्हणल्यार सगळयांच्या हिताचें जें आसता तें साहित्य. अशेच तरेन पुस्तकांतली भाशा साहित्य मूल्यवान आसूंक जाय. कित्याक तर पुस्तकांच्या मुल्याचो परिणाम वाचप्यांचेर जाता. जर साहित्यांत समाजाखातीर बरें कितें आसा जाल्यार ताचो समाजाचेर बरो परिणाम जाता. साहित्यांत जर विकृत आनी अनैतीक अशे तरेचें कितें आसा जाल्यार वाचक वर्गाचेर ताचो वायट परिणाम जाता. साहित्यांत सौंदर्य आसपाक जाय. ह्या सौंदर्याची समज रचनाकाराक समाजांतल्यान प्राप्त जाता. हेच खातीर साहित्याक समाजाकडल्यान पयसांवक शकनात.[२३१] साहित्य समाजाचे व्यवस्थेचें एक संस्कृतीक आंग. तें त्या व्यवस्थेचेर प्रभावीत जाता आनी ताका प्रभावीत करता. समाजांतल्या नैतीक धारणांक सांबाळून धरपाचो प्रयत्न नवो न्हय आनी साहित्याकडल्यान समाजीक अडचणींचेर समाधान मागपाचो प्रयत्न लेगीत नवो न्हय.[२३२] साहित्याचें मूल्य जिणेच्या मूल्यांचे विरोधी जांवक शकना. भारतीय मानस लेगीत जिणेच्या मूल्यांक साहित्याची उंचेली सुवात मानता.[२३३] कुसुमाग्रजां प्रमाण साहित्याची निर्माणभूमी समाजांत आसता.

साहित्याचो जीवननिरपेक्ष वा संस्कृतीनिरपेक्ष असो विचार आमी करूंक शकनात. समाजीक जिणेच्या दुखण्याचो आविश्कार साहित्यांत जाता.[२३४] साहित्याच्या समाजशास्त्राची वास्तविकताय म्हणल्यार समाजशास्त्र आधुनीक युगाचो नवो विशय. मार्क्सवादी विचारधारांक लागून ताचेर चड भर दिल्ल्यान साहित्याचें समाजशास्त्र आवश्यक जालें. साहित्य अध्ययन वा समिक्षा ही एकमात्र प्रणाली न्हय हें लक्षांत धरपाक जाय. ह्या पध्दतीचो आधार घेवन स्व-विवेचनाची अपेक्षा आसता. विशेश करून राजशेखराच्या 'प्रतिभास-निबन्धन' ची व्याख्या करतना गणेश त्र्यंबक देशपांडे म्हणटात "वस्तुचो प्रतीभास वा प्रतिती वस्तुक जोडिल्लो संबंधबद्ध आसना. हाचो अर्थ असो नासता की ती प्रतिती असत्य आसता. कविची ही प्रतिती लोकव्यवहाराच्या वा लोकानुभवाकडल्यान संवादीत आसता. तातूंत सत्यता आसता. राजशेखरान हांगा शास्त्रीय प्रत्यक्षांत ठळकपणान दाखयल्लें आसा. काव्यांत वर्णन केल्लो प्रतीभास निबंधन आशिल्ल्यान कल्पित आसताच तरी पणू सत्य निबंधन आशिल्ल्यान कल्पनाप्रोढ जायत आसा.[२३५] एकेनबामन एक फार्मूला दिला - साहित्यिक रीति (लिटरेरी मोरस) जातूंत साहित्य आनी समाजाचो सहसंबंध स्थापित केला. ताणें मार्क्सवाद्यांच्या प्रमाण समाजाक साहित्याचेर आदारीत केला.

बारिब्रन स्कूलचे दोन रूपवादिय्याक मेदवेरेव आनी वोलोशिवेवान साहित्याक विचारधारांकडेन जोडलां. ही विचारधारा मार्क्सवादी विचारधारा आशिल्ली (स्टालिनवादी मार्क्सवादी विचारधारा न्ही) तांणी भाशेक आनी साहित्याक जोडून आपल्या साहित्यशास्त्राक समाजशास्त्रीय साहित्यशास्त्र म्हणलां.[२३६] टाइने प्रमाण तांचो चड भर ह्या गजालींचेर आसा की कृती ज्या काळांत बरयल्ली आसता, त्या काळाच्या समाजीक वर्गा मदलें संबंध सूत्र सोदप गरजेचें. पूण सहसंबंध कशे सोदपाचें हाचेर ते प्रकश घालनात.

"अशी गरज आसा की कृतिची सार्थकताय ताची आपली पदावली समजप, ह्या सौन्दर्यशास्त्री पद्धतीकडल्यान मनशांक आनी वस्तुंक एक ठोस संसाराच्या रूपांतल्यान पळयलें जाल्यार जाचेविशीं लेखक आमचेकडेन उलयता ताणें हाका रचिल्लो आसा." खरें म्हणल्यार लेखकाचो रचना संसार जो तो चिंतता, पळयता, वा अणभवता तो आसना. रचना प्रक्रियेंत मोडटकच ताचें चिंतप बदलता. लेखकाचें चिंतप आनी रचना संसाराच्या चिंतपांतलें अंतर समीक्षेचें काम करीत आसता. हांगा बाल्जकची देख दिवन म्हणटात, बाल्जक प्रतिक्रियावादी आनी राजतंत्रवादी आशिल्लो. ताणें आपले कुशळतायेन राजतंत्र आनी आभिजात वर्गाचें शोषण आनी अत्याचारावयलो पड्डो उखल्लो.[२३७] साहित्य समाजशास्त्राचें साहित्यांतलें

अस्तित्व पळोवया. समाजशास्त्रीय समिक्षा म्हणल्यार, साहित्याक समाजशास्त्राकडेन जोडून नव्या आयामाची निर्मणी केली. साहित्यशास्त्राक समाजशास्त्राकडेन जोडून एक नवो आयाम निर्माण करूं येता.[२३८] साहित्याक साहित्य अध्ययन वा समाजशास्त्रीय नदर साहित्य जर जिणेची समिक्षा आसा तर, तातूंत जिणेची छाप पडप सभावीक आसता. साहित्यांत जिणेच्या अडचणींची अभीव्यक्तीय आसता. साहित्य जिणेक समजपाचें साधन.[२३९] साहित्याच्या समाजशास्त्राचो इतिहास पळोवंया.

समाजीक रचनेचेर प्रस्न सतराव्या शेकड्यांत जेन्ना जेम्स राइट हांणी नाटकाच्या संबंधान चर्चा केल्ली तेन्ना उपस्थीत जाल्लो. पूण खरेपणी साहित्य-समाज हो विचार अठराव्या शेकड्यांत आयलो.[२४०] जे. सी हर्डर (१७४४-१८०३) आनी मदाम द स्ताल (१७६६-१८१७) हांकां ह्या विशयाचो तार्कीक आदार मानतात.[२४१] साहित्याचें समाजशास्त्र हें उतर निर्माण करपाचें श्रेय आग्युस्त कोंत (१७९८-१८५७ ) हांकां वता. पूण वैचारिक विकास दिवपाची भूमिका ईमालीत अडोल्फ तेन (१८२८-१८९३) हांकां वता. तेने जायते वाटेन विचार करताले. तांचो प्रसिद्ध ग्रंथ 'इंग्लिश साहित्याचो इतिहास' आसा. ह्या नदरेंतल्यान ते जायत्या अडचणींत पडले पूण तांकां संपूर्ण स्वीकृती मेळूंक ना. पूण कला आनी साहित्याच्या विशयांत तांचे विचार समाजशास्त्रीय दृश्टींतल्यान संपन्न आसात.[२४२] साहित्याच्या समाजशास्त्राचेर कार्य करपी तशे जायते जाण आसात, पूण हांचीं नांवां चड मोलाचीं थारतात - तेन, लियो लावेंथल, जॉर्ज लूकाच, गोल्डमान, रैमंड विलियम्स, ऐलन स्विंगवुड, टेरी ईगलटन, जॉन रदरफोर्ड. ल्यूसिएँ गोल्डमान हांचें 'द हिडेन गॉड' (१९५६) कादंबरीच्या समाजशास्त्राच्या नदरेंतल्यान म्हत्वपूर्ण थारता.[२४३] ल्यूसिएँ गोल्डमान 'टुवड्‌र्स द सोशियालॉजी ऑफ नॉवेल' इंग्लीश १९७५ वर्सा आयिल्लें हें पुस्तक महत्वपूर्ण थारता.[२४४] साहित्य समाजशास्त्राचो विचार आनी विकास हाचो १७ व्या शेकड्यांत स्वीकार जालो. १७ व्या शेकड्या पयलीं साहित्यांत कल्पना आनी धर्म हांकां अलौकिक प्रतिभेंचे फळ मनताले पुणून भौतिक मूल्यांच्या संदर्भांत साहित्याचें अध्ययन खूब कमी जाल्लें. ताका महत्व लेगीत कमी मेळटालें. १७ व्या शेकड्यांतल्या लेखकांनी प्रमाणीत तथ्यां सिद्ध केल्लीं. तांच्या प्रमाण साहित्य सैमीक मूळावी उपज. तांणी सैमीक कारणांचे विशेश करुन जल वायु आनी भुगोलिक परिस्थितिंचीं तथ्यां अस्पश्ट रुपांतल्यान राष्ट्रीय चरीत्र आनी स्वतंत्रतायेच्या कठीण रुपांत लक्षित केलीं. ह्या शेकड्यांतल्या विचारकांनी साहित्याच्या महत्वाचो कायदेशीर मूल्यांक समजवपाचो प्रयत्न केल्लो. अशे तरेन १७ व्या शेकड्यांतच साहित्य युगीन अंतरगत विचार धारांच्या पडबिंबाक स्थान मेळ्ळें.

१८ व्या शेकड्यांतल्या वीको हांणी आपल्या "न्यू सांइस" ह्या ग्रथांत १७२५ स्पष्ट केलां. समाजीक श्रृष्टि अलौकिक शक्तिचो परिणाम नासून मानवीय आसा. शेवटाक ताच्या संस्थांचें, कला आदिचें विश्लेषण भौतिक परिवेशान जावप गरजेचें आसा. साहित्याच्या मर्यादांचें परिवर्तन आनी विकासांत समाजीक विकासाची प्रक्रियेची महत्वपूर्ण भूमिका आसता. साहित्याच्या समाजशास्त्रीय चिन्तनाचो आरंभ समाजांतल्या साहित्याच्या संबंदाच्या शोधांच्या वांगडा जाला. ह्या चिंतनांच्या आरंभाक विचारवंतां मदीं मदाम स्तेला हे बायल दर्शनीकाक विशेश महत्व आसा.[२४५] मदाम स्तेला हांणी 'दि ला लितरात्यार'[२४६] ह्या आपल्या पुस्तकांत अशें म्हणलां "म्हजो उद्देश साहित्याचेर पडटल्या धर्म, रीतरीवाज आनी कायद्याचें परीक्षण करप, कित्याक तर साहित्याच्या प्रवृत्तिच्या निर्मणेंत समाजीक वा राजकारणाच्या प्रभावाचें विवेचन जांवक ना." एलन स्विंगवुडान मादामाक विशेश म्हत्व दिलां. हर्डर (जर्मन दार्शनिक) हांणी समाजशास्त्र आनी साहित्याच्या संबंधान चर्चा केल्या.[२४७] जर्मन विचारक हेगेल (१७७०-१८३१) प्रमाण साहित्य समाजाची अभिव्यक्ती आसा.[२४८] साहित्याच्या समाजशास्त्रीय चिंतनाचे परंपरेचो १९ व्या शेकड्याच्या आरंभांतल्यान प्ररंभ जालो. तशें ह्या चिंतन धारेक व्यवस्थीत आरंभ करपाचें श्रेय फ्रांसाच्या मादाम स्तेलाक वता. सुमार १८०० वर्सा तांच्या प्रकाशीत पुसतकांत ह्या चिंतन परंपरेची सुरवात जाली. मदाम स्तेला आपल्या पुस्तकांत वेगवेगळ्या समाजीक संस्थांच्या संबंधांविशीं चर्चा केल्या. त्या भायर साहित्याचो समाजशास्त्रीय विकास करपाक मार्क्सवादी विचारक लिओ लावेंथल, लुसिए, गोल्डमान आनी रेमण्ड विलियम्सान म्हत्वपूर्ण योगदान दिलां. जसो जसो वेळ बदलता तशें साहित्य फकत सौन्दर्य बोधात्मक उरनासतना चेतना परक जाता. त्याच तरेन समाज परक आनी चेतना परक साहित्याचें अध्ययन समीक्षेंत फकत भाशीक विश्लेशणाच्या आदाराचेर आसना, जेन्ना भाशीक विश्लेशणाची शीम फुडें येवपाक लागता तेन्ना समीक्षक साहित्याच्या समाजशास्त्रीय पद्धती वाटेन वळटात. साहित्याची समाजशास्त्रीय पद्धती वाटेन वळपाचें आनीक एक कारण म्हणल्यार आयच्या युगाचें सगळें साहित्य समाजीक यथार्थाक लागीं आसता. घडये त्या साहित्य कृतिंचो रचनाकर आपल्या साहित्य कृतिंक समाजीक म्हणचोना, हाकाच लागून साहित्यीक रचनांच्या जिणे भायर विवेचन करप आनी तें समाजशास्त्रीय पद्धती अन्तर्गत आसूंक जाय अशें वर्णन करप रचनाकाराक गरजेचें जालां. नामवर सिंह, राम विलास शर्मा, रांगेय राघव, मुक्तिबोध आनी शिव कुमार मिश्र हांणी साहित्याच्या समाजशास्त्राक समर्थन दिलां, हेच विचारक समाजवादी यथार्थवादाच्या अवधारणांक (concept) साहित्यीक समीक्षेचो प्रमुख आदार मानतात.[२४९] हाच्या भायर फ्रांसीसी विद्वान

एच. तेने हांणी साहित्याच्या समाजशास्त्राक विज्ञानीक निरूपणाची दिशा सगळ्यांत पयलीं दिल्या. तांणी मदाम स्तेलाची विचारधारा फुडें पावोवन ताका संपुर्णताय दिली.[२५०] साहित्य अध्ययनाक समाजशास्त्रीय नदरेक विशेश धारणा स्पश्ट केल्ल्यो आसात. ताचे दोन प्रकार आसात.

१) प्रतिबद्ध दृश्टिकोण (रूसी वा चीनी)

२) समाज सापेक्ष दृश्टिकोण (अमेरीकन)[२५१]

## १.९.४ साहित्यकाराचो दृश्टिकोण

साहित्य समाजाचो हारसो आसता. जातूंत समाजाचें पडबिंब आमकां दिसता. समाजांत रावतल्या प्राण्यांच्या जिणेची सावळी साहित्यांत दिश्टी पडटा. साहित्यकार आपलें कर्तव्य बरे तरेन निभयता. तो स्वता जें अणभवता तें तशाक तशें चित्रायता. कांय समाजांत आदर्श स्थापन करपाक मुखवटो धारण करून आदर्श लोकांविशीं उलयतात. कांय कला परिस्थिती अनुसार यथार्थ चित्राचें सदृश सांकेतीक, सूक्षिम वा प्रतीकात्मक शब्दावलीच्या योग्य स्थितीचें चित्रण करतात. जसो वेळ परिवर्तनशील आसता तोच प्रकार वैयक्तिक मागण्यो, अपेक्षा बी परिवर्तनकारी आसतात. हाचो परिणाम असो की समाजीक मान्यतायेंत बी परिवर्तन अपेक्षीत आसता. असल्या परिस्थितींत साहित्यकाराचें कर्तव्य आसता की तो परिवर्तनशील स्थितींत आपल्या समजणेंतल्यान कलाकृतींत विवेचीत करता. समाजांत राविल्ल्यान समाजीक मान्यताय रित-रीवाज, नित नियम ताका मानपाक पडटात. समाजांत पाळिल्ल्या आदर्शांचें वाहन ताकाच जावचें पडटा. जिणेचें हे यथार्थ ताका चिंतपाक विवश करता. समाजाच्या मूलभूत सांच्याक परिवर्तित करपाक निरन्तर संघर्श चलता. लेखकाक आयचो यथार्थ आकर्शीत करता. हाकाच लागून यथार्थ सदांच नव्या गजालींचे अणभव करतात.[२५२] समाज कितेंय सांगूं पूण यथार्थ सदांच परिवर्तनाच्या वाटेन वळटात आनी फाटल्या मान्यतायेक सदांच तोडून उडयतात. केन्ना केन्ना पिळग्यान पिळग्यो चलतल्यो समाजीक मान्यतायो एकदम तोडप सोपें आसना. लेखक जेन्ना नवें कितें सांगता तेन्ना ताचो खर विरोध जाता.[२५३] साहित्यकार परिस्थिती अनूकूल आपली कलाकृती रचतात. समाजांतल्यो ब-यो, वायट गजाली, मान्यतायो, विचारधारणा आनी सिद्धांत साहित्यांतल्यान कळटात. साहित्य समाजाक बदलपाची शक्ती दवरना पूण समाजीक जिणेंत मेळटले विसंगतिच्या प्रती समाजाक जागृत आनी सचेत करपाची क्षमता मात दवरता.

साहित्यकार समाजीक प्राणी आसून संवेदनशील आसता. समाजाच्या पर्यावरण स्थितीकडल्यान तो प्रभावीत जाता. समाजाच्या यथार्थ स्वीकृत संघर्शाची अभिव्यक्ती करतना ताचें ध्येय स्पश्ट जाता.

ताच्या फूड्यांत दोन आयाम आसतात.

१) समाजीक मूल्य

२) व्यक्तिमूल्य

पूण हीं दोनूय मूल्यां एक दूस-याचेर आश्रीत आसतात पूण साहित्यकार हातूंतल्या एकाक प्रधान्य दितात. जर निबंधकार समाजीक परिवर्तनांतल्या उत्पन्न नवीन मूल्यांची व्याख्या करता. तर व्यक्तीचेर हांचो कितें प्रभाव पडटा हाचें निरूपण करचें पडटा. जर व्यक्ती मूल्यांविशीं उलयता तर व्यक्तींत व्दंव्द संघर्श तयार जातात. कित्याक तर समाजांत रावतल्यो व्यक्ती आपल्या अंतरांत संघर्श आनी विद्रोहाच्या उपरांत लेगीत समाजाक सहयोग करतात. आपल्या अस्तित्वाक स्थायित्व दिवपाक संघर्श करतात. घडये तो स्वताचकडेन लेगीत संघर्श करता आसत.[२५४]

## १.९.५ साहित्याची मर्यादा

मनीस जें चिंतता तेंच बरयता. तोच साहित्याचो जनक आसता. तातूंत ताची चित्तवृती प्रतिबिम्ब जाल्या अशें म्हणूं येता. साहित्याचो दायजा कडेन विशेश संबंद आसता. ताच्यांत जी विलक्षणताय, सृजनात्मकताय, प्रतिभा, कल्पना, रचनादृश्टी आनी खाशेलताय आसता ती कोण वेगळी करुंक शकना. साहित्य मनशाच्या मनांतली अभिव्यक्ती आनी अणभव आसता. जातूंतल्यान फकत मनशाच्या हिताचें बरप आसता. साहित्यांत फकत ज्ञानाक प्राधान्य चड आसता. पूण साहित्यांतल्या ज्ञानाचें लक्ष्यांत धर्म, काम आनी मोक्षाची प्राप्ति जांवक शकता. पूण साहित्याचो उद्देश चतुवर्गाची प्राप्ति करप आसता.

साहित्य शब्दाची व्याख्या करप तितलें सोपे न्हय. जेन्ना आमी साहित्याची व्याख्या करता. तेन्ना आमकां कळून येता की 'साहित्य' हें मूळ संस्कृत उतर आसा. साहित्य ह्या उतराक जर विसकटावन पळयलो जाल्यार आनी व्याकरणाच्या नदरेन पळयलें जाल्यार अशें कळून येता की सा - धातु, च्या बरोबर क्त प्रत्ययाच्या संयोगान, हित उतर निश्पन्न जाता. हें हित उतर जोडून साहित्य उतर निश्पन्न जाता. जाचो अर्थ

जाता वेगवेगळ्यो वस्तू मेळोवन हित करप. पयली साहित्य उतराचो वापर व्हड प्रमाणांत जातालो. मागीर काळांतरान वाङ्मय आनी काव्याक साहित्य उतर वापरुंक लागले. साहित्यांत सगळ्या जीवनाची अभिव्यक्ति आनी ज्ञान - चेतनेचो बोध आसता. साहित्यांतली अभिव्यक्ति वेगळी आसता. म्हण साहित्याचें स्वरुप, व्याख्या आनी परिभाशा वेगळ्यो जातात.

डॉ नगेन्द्र प्रमाण साहित्य (वा कला) च्या समाजशास्त्राचो सरळ अर्थ जाता साहित्याचें समाजशास्त्रीय अध्ययन. समाजीक जीण वा समाजीक संबंधीताचे सरभोंवतणी साहित्याचें अध्ययन, समाजीक जिणेच्या प्रक्रिये अंतर्गत साहित्याचें अध्ययन. समाजीक क्रियांच्या रूपांत साहित्याचें वेगवेगळ्या आयामांनी उंचेल्या पांवड्याच्या साहित्याचे आनी समाजीक विधानांचे संबंध वा प्रभाव प्रक्रियेचें अध्ययन करप. समाजशास्त्राच्या कोशांत कलेचो समाजशास्त्रीय अर्थ दिला तो असो. "अशे तरेची विद्या जी कलाकृती वा कलाकाराचो परस्पर प्रभावा संदर्भांत कलेचें स्वरूप निरूपण, वर्गीकरण वा व्याख्यान विवेचन करता." साहित्य आपल्या व्यक्त रूपांत, साहित्यकार वा रचनाकार, साहित्य कृती आनी साहित्याच्या वाचक वर्गाचो त्रिकोण आसा, आनी ह्या तिगांचो आपलो वेगवेगळो समष्टि रूपांत एक समाजीक परिवेश जायत आसता. साहित्यकाराच्या कृतित्वाचो ज्या रूपांतल्यान विकास जायत आसता, ज्या परिस्थितींतल्यान तो साहित्य साधना करीत आसता, तो साहित्यकाराचो समाजीक परिवेश आसता. ज्या समाजीक संदर्भाचो आधार करून आनी ज्या विशेश समाजीक परिस्थितींतल्यान साहित्य कृतीची रचना प्रक्रिया पूर्ण जाता, तो कृतीचो समाजीक परिवेश आसता. रचनाकार आनी रचनेच्या समाजीक परिवेशांत घनिश्ट संबंध आसतात, दोनुय केन्नाच एक आसनात. केन्नाकेन्ना कृतीची रचना प्रक्रिया असल्या परिस्थितींतल्यान वता जी कृतीच्या सामान्य परिस्थितीच्या परस वेगळी आसता. हाच्या भायर एक तिसरो समाजीक परिवेश आसा जो वाचक जो रचनाकार आनी रचनेच्या परिवेशां परस भिन्न आसता. रचनाकार, कृती आनी वाचकाच्या त्रिकोणांत साहित्याचें समाजीक परिवेशाचें विश्लेशण आनी संश्लेशण साहित्याचें समाजीक शास्त्रीय अध्ययन आसता.[२५५]

## १.९.६ साहित्याच्या समाजशास्त्राचो उद्देश

आज समाजशास्त्र अध्ययन एक खाशेलो गिन्यानाचो फांटो आसा. समाजशास्त्राच्या सिद्धांताच्या आधाराचेर खंयच्याय कृतीचें विश्लेशण करूंयेता. तशें साहित्याची उपज आसा आनी समाजशास्त्राचें अध्ययन विशय

समाज आसा. असल्या स्थितींत साहित्यकार मौलिक रूपांतल्यान समाज वा समाजशास्त्राक व्यक्त करतात. हातूंतल्यान मुक्त जावन ते आपली रचनात्मक अभिव्यक्ती करूंक शकनात.

डॉ नगेंद्र प्रमाण मूर्त वा व्यक्त रूपांत रचना वा कृती आसता, अव्यक्त रूपांत कृतिच्या फाटल्यान ताचो रचनाकाराचें व्यक्तित्व आनी ताच्या व्यक्तित्वाच्या फाटल्यान ताचो समाजीक परीवेश आसता. ते आपलो दृष्टीकोण मांडटना अशें म्हणटात, रचनाकार, कृती, आनी वाचकाच्या त्रिकोण रूपांत साहित्याच्या समाजीक परिवेशाचें विश्लेशण आनी संश्लेशण साहित्य समाजशास्त्राचें अध्ययन आसता.[२५६]

डॉ रामविलास शर्मा प्रमाण साहित्याक विज्ञान वा दर्शनापरस व्यापक मानतात. साहित्य शब्दांतल्यान, चित्रांतल्यान, मनांतल्यान प्रभावीत करता. ताचो प्रभाव दर्शन आनी विज्ञानापरस चड व्यापक म्हण ताचो संबंध इंद्रियां बोधाकडेन आसा. ताचें माध्यम लेगीत रूपमय आसता. कल्पनांच्या आदारांतल्यान वेगवेगळें रूप वाचक वा श्रोत्यांच्या मनांत जागयत आसता. ताची विशय वस्तू लेगीत रूपमय आसता. ते चिंतनाचे निश्कर्श दिनात. जिणेचें चित्र दितात. साहित्य प्रतिभेच्या बळाचेर नवे भाव आनी विचार समाजाक दितात. साहित्याच्या शक्तीविशीं आचार्य महावीरप्रसाद द्विवेदी अशें बरयतात. साहित्यांत जी शक्ती मेळटा ती तोफ, तलवार, अण्वास्त्रांत लेगीत मेळूंक शकना. साहित्यकार खूबदां आपल्या काळाकडच्यान प्रभावी जाता. जेन्ना खंयचेंय विचारांचें ल्हार खंयच्याय देशांत येता तेन्ना साहित्यकार ताच्या पासून पयस रावूंक शकना.[२५७] समाजशास्त्राच्या अध्ययनाच्या उद्देशाच्या संदर्भांत विचार करतना मनांत जायते प्रस्न उबे रावतात. मनीस समाजीक जीव आसा. समाजांत रावन लेगीत ताका जायत्या व्यक्तींकडेन गरजेप्रमाण संबंध स्थापित करचो पडटा.[२५८] खंयचोय लेखक सांप्रदायीक स्थितीक लोकांसामकार हाडपाक तत्कालीन घडणुकांचो आधार घेता आनी मागीर समीक्षक त्या रचनेंत प्रस्तुत सांप्रदायीक जिणेच्या आधाराचेर विश्लेशण करताना ताचें कार्य कारण अध्ययन करून स्पश्ट करतात.[२५९] जेन्ना खंयचोय साहित्यकार समाजाचेर वैचारीक लिखाण करता तेन्ना समाजाक ताचें गंभीरपणान चिंतन करप गरजेचें दिसता. मनशाच्या जिणे बरोबर साहित्याचो संबंध घेतलो जाल्यार ताका स्पश्ट करप चड सोपें जाता. मनीस साहित्याचो रचणार तेच तरेन तो एक प्रमुख विशय आसा. मनशाची जीण ही चड व्हड वेगळेताय लाबिल्ली पूण कठीण आसा.

थळ भेद आनी काळ भेदाक लागून मनशांच्या चिंतपांत आनी विचारांत बदल येता आनी कर्म आनी आचरणांत वेगळेताय येता. संघर्शमय परिवर्तन मनशांत बदल हाडटात, तेच तरेन साहित्यांत बदल जायत

आसतात. साहित्य निर्माण करचे खातीर असो एक थारावीक विशय ना. मनशांच्या हिताक जें पोशक आकार दिता त्याच क्षेत्रांत साहित्यांत विस्तार जाता. मनशान आपल्या जिणेंत उदरगत केल्या वा ज्ञान प्राप्त केला, वा कसलेंय कर्म करता जाल्यार ताका कसल्या तरी रूपान साहित्य जापसालदार आसता. रचनाकाराच्या[२६०] नवी वस्तू सृश्टिक लागून साहित्यांत नूतन अभिव्यक्ती आनी भाशाशैलीचें नवें रूप येवप स्वभावीक आसा. मनशांभशेन साहित्य लेगीत बहुआयामी आनी ताचो विस्तार व्हड आसता. ह्या क्रमान साहित्य आनी समाजशास्त्राचो परस्पर संबंध स्पश्ट जाता. समाजशास्त्राचो संबंध समाजाच्या अध्ययना बरोबर आसता. जशें समाजाचें विज्ञान, समाज संगठनाचें वैज्ञानीक अध्ययन, समाजीक संबंध आनी ताचो विस्तार व्यवस्थेंत योग्य अशा तत्वाचें अध्ययन.[२६१] डॉ. विद्यानिवास मिश्र, हांचे प्रमाण, साहित्यांत सगळयो कला अपेक्षीत आसतात, समाजाच्या बरोबर दोन कारणांक लागून चडांत चड संबंधीत आसतात. कारण साहित्याचें माध्यम भास. भास समाजाची एक श्रेश्ट सत्ता. भाशा समाजाक परिभाशीत करपाक एक मुखेल लक्षण आनी समाजाच्या सगळया व्यवहारांचें साधन. समाजांतल्या साहित्यांत आनीक एक कारण आसा, समाज साहित्या परस व्हड आसता. समाजांत साहित्य रचना पयलीं आसा तातूंत लेखकाच्या चेतनेक महत्वपूर्ण स्थान आसता. रचनांच्या उपरांत समाज साहित्याचें एक महत्वपूर्ण आंग जाता. म्हणल्यार रचना समाजाखातीर आसता आनी साहित्याचो अर्थ स-हित आसता. हातूंतल्यान स्पश्ट जाता की साहित्य आनी समाजाचो परस्पर संबंध आसता. विद्वानांनी ह्या संबंधांक वेगवेगळया सिद्धांतांनी घालपाचो यत्न केला. साहित्य आनी समाजशास्त्राच्या परस्पर संबंधांची स्विकृती साहित्याच्या संस्थात्मक स्वरूपाची खाशेली भूमिका आसता. साहित्य हेर संस्थांवरी संस्था आसता. क्रियात्मक संबंध समाजीक संस्थांचें रूप धारण करतात. व्यक्ती आपल्या गरजांची पूर्ती करपाक दूस-या बरोबर क्रियात्मक संबंध स्थापीत करतात. क्रिया करतल्या व्यक्तींचे विचार, भावना आनी मनोवृत्ती स्पश्ट जातात. साहित्यांतल्यान आपल्या प्रातिनिधीक भावनांक व्यक्त करून रचनाकार, वाचपी आनी समाजाच्या मदीं क्रियात्मक संबंध स्थापीत करतात.[२६२] अशे नदरेन पळयल्यार साहित्य एक संस्था हें दिसून येता. साहित्याची आपली संरचना आसता. जी समाजीक, सांस्कृतीक संगठन आनी विघटन मूल्यां, सत्य शिव आनी सुंदर आदर्श तांचेर आधारीत भूमिका व्यक्त करून आपल्या वांगड्यांचें हित सादता. वांगड्यांक मूल्य आनी दिशा निर्देश प्रदान करप संस्थांचें कार्य आसता. साहित्याचें हें कार्य सूक्ष्म वा भावात्मक तरेन जाता. साहित्याचो मूळ अर्थ स -हित आसप, हिताची पूर्ति करप आनी हितांचें संपादन करतली कार्य प्रणालीची संस्था आसा. वाचपी जर साहित्याच्या रसास्वादनांतल्यान फकत आनंद वा शांती प्राप्त करूंक सोदता जाल्यार तो साहित्यीक लाभ आसा

कित्याक तर तेंय एके तरेचें हीत आसता. हिताचें आधारभूत तत्व मनोवृत्ती आसता, कित्याक तर मनोवृत्तितल्यान हिताची निर्मणी आनी विस्तार जाता. हातूंतल्यान मनशाच्या समाजीकतायेचो विकास जाता. साहित्य मनोवृत्तीची अभिव्यक्ती करपाची कार्य प्रणाली आसता. अशे तरेन रचनात्मक, क्रियात्मक वा[२६३] नव निर्मणेंतल्यान निर्देश केल्या शक्तिंतल्यान संपन्न जावपाचें कारण साहित्याक समाजीक संस्था आसपाचो गुण प्राप्त करता. प्रसिध्द जर्मन समाजशास्त्री वीरकान्ट मूलतत्वाच्या समानतायेच्या आधाराचेर साहित्य आनी समाजाचें सामके लागशिल्लें नातें स्पश्ट करतात. समाजशास्त्राची मुखेल घडामोड समाज वा समाजीक संबंधांत घडटा, जाचेर मनशाचे समाजीक तत्वाचे व्यवहार चलतात.[२६४] अशे तरेन समाज आनी साहित्याचो संबंध लागींचो आसा. ह्या पुराय भासाभाशेवेल्यान साहित्य आनी समाजाचें लागशिल्लें नातें जाणवता.

## निश्कर्श

लेखकान निर्मिल्लें खंयचेंय साहित्य लेखकाचें आपलें केन्नाच आसना. तें पुराय समाजाचें आसता. समाजांत वेगवेगळ्या जातींतले लोक एकठांय रावतात. एकठांय रावप हो समाजाचो मूळ धर्म. एक एक मनीस एकठांय येवन समाज निर्माण जाता. समाजशास्त्रा प्रमाण समाज म्हणल्यार मनशांचो पूंजो. जो समान उद्दीश्ट, विश्वास, व्यवसायांच्या पुर्तताये खातीर एकामेका बरोबर रावता आनी काम करता. व्यक्तिंचो पूंजो आसा जो तांचे भितरले आंतर क्रियेक लागून एकामेकाकडेन संबंधीत आसता. समाज स्वता एक संगठन आसा, जातूंत सहयोग दिवपी व्यक्तिंचो एक समाजीक घटक आशिल्ल्यान तांचो एकामेकांकडेन संबंध आसता. दादले, बायलो वा भुरग्यांचो खंयचोय स्थायी वा अस्थायी पूंजो आसता. जो आपल्या सांस्कृतीक स्तरार स्वतंत्र रूपांतल्यान प्रजातिच्या उत्पत्ती वा पालन पोशणाची प्रक्रिया करता. सामान्य रितीन समजून घेतलें जाल्यार समाज म्हणल्यार मनशांचो समूह. इंग्लीशींत समाजाक सोसायटी म्हणटात. समाजशास्त्राच्या अध्ययनाचो संबंध मनशांच्या इच्छा आकांक्षाकडेन आसता. समाज ह्या मानवी पुंजुल्याचें शास्त्रीय अध्ययन करून. समाजांतल्या वेगवेगळ्या घटकांच्या परस्परसंबंधांच्या वेव्हारांची चिकित्सा, विश्लेशण, अनुमान, कारणां, परिणाम हांचो आसपाव ह्या अध्ययनांत जाता. "समाजशास्त्र" हो शब्द फक्त मनीस समाजाच्या अध्ययनाक लायतात. समाजशास्त्रांत विज्ञानीक पद्धतीचो प्रयोग करतात, जें विज्ञान जावपाक गरजेचें आसता. समाजशास्त्रांत प्रस्नावळ, मुलाखत, बारीकसाणेन पळोवप आनी जिवीत

इतीहास. ह्या पद्धतींचो प्रयोग करून निश्कर्श काडटात. समाजशास्त्र वैज्ञानीक पद्धतीच्या प्रयोगाचें विज्ञान आसा. समाजशास्त्रांत मानव समाज महत्वाचो थारता. मनशाच्या समाजांत रावतना ताका सगळ्यां कडेन आपलो संबंध दवरचो पडटा. त्या संबंधांतल्यान निर्माण जावपी प्रस्न आनी अडचणीचें अध्ययन समाजशास्त्र करता. मनशांच्या पुंज्यांच्या जिणेचें आनी पुंज्यांचें जीवनाकडेन संलग्न आशिल्ल्या रुढी, परंपरा, संस्था आनी आचार विचारांचे प्रकार हांचें अध्ययन लेगीत समाजशास्त्रांत जाता. १९ व्या शतकांत टॉनी, सिमेल आनी दुर्खीम ह्या समाजशास्त्रज्ञांनी समाजशास्त्राची उदरगत केली. त्या उपरांत आगुस्त कॉंत Social Physics १८८२ ह्या वर्सा ताणी ताका Sociology म्हणलें. भरतांत डॉ. जी. एस. घुर्ये हांकां समाजशास्त्राचो जनक म्हणटात. तांणी भारतांत समाजशास्त्राची बुनयाद घातली. मनशांच्या समूहाची आनी जिणेची सगळी म्हायती मेळोवन. त्या म्हायतीचें समाजीक धोरण समाजीक नियोजन थारायतकच उपयोग करुन घेवप. समाजीक घटनांचेर सगळ्या सहकार्याचें नियंत्रण दवरप हें समाजशास्त्राचें दुसरें उद्दिश्ट. समाजशास्त्र मनशांच्या कल्याणा पासत वा समाजीक पुनर्निर्मणेंच्या उपायांक समजूंक वैज्ञानीक उपाय सुचयता. समाजशास्त्रांत भावनात्मक एकीकरणाच्या संबंधान महत्वपूर्ण सुचोवण्यो दिवन साधना मेळोवपाचें कार्य करपा खातीर रूढिवाद, पूर्वाग्रह आनी अंधविश्वास पयस करपाक, समाजशास्त्राचें अध्ययन चडांत चड गरजेचें आसा.

समाजशास्त्राचे मुखेल फांटे आसात राजकीय, अर्थीक, नागरी, कायदो, इतिहास, मानस आदी. संस्कृती म्हणल्यार समाजांत जियेवपाची रीत जातूंत ज्ञान, विश्वास, कला, आचार, कायदो, हेर क्षमता आनी संवंयांचो समावेश आसता, जांकां मनीस समाजाचो सदस्य आशिल्ल्यान प्राप्त करता. संस्कृती आनी समाजांत घनिश्ट नातें आसा. परंपरा, रीति रीवाज, जीण सारपाची रीत, आहारविशयक संकल्पना, न्हेसप, इतिहास, संगीत, कला, जिणेंचो दृश्टिकोण हे घटक मेळून संस्कृतीची निर्मणी जाता. संस्कृतीक मूल्यांच्या आधाराचेर विशिश्ट प्रकारचे संस्कार मनशाचेर जातात. त्याच संस्कार पद्धतींतल्यान संस्कृतीचो समाजीक वारसो टिकून उरता.

संस्कृती आनी सभ्यतायेचें घनिश्ट नातें आसता. संस्कृती आनी कला हांचें चडांत चड लागींचें नातें आसता. कित्याक तर संस्कृती बगर कला अपूरी आसता. खंयचीय संस्कृती आसूं ती कले बगर अर्दकुटी आसता.

कलावंत एखाद्या वस्तूच्या जाग्यार आपल्या आत्मस्वरुपाचो जो आविश्कार करता ताका कला म्हणूं येता. समाजांत जें घडटाताचें पडबिंब साहित्यांत आमकां पळोवपाक मेळटा. पूण मार्क्सवादी सिद्धांतांच्या प्रमाण समाजीक अस्तित्व ही मनशांच्या चेतनेक निर्धारित करता आनी साहित्याचो संबंध, समाजीक चेतना वा मानवीय संवेदनांतल्यान जाता. साहित्य समाजशास्त्राचें अध्ययन करतना समाजांत जें घडत आसता ताचें पुराय पडबिंब साहित्यांत दिश्टी पडटा. साहित्यकार आपल्या काळाची उपज आसता. ताच्या काळाची समाजीक, धर्मीक वा राजकारणी परिस्थिती ताच्या व्यक्तित्वाची निर्मीती करता. तो ज्या वातावरणांत रावता त्या वातावरणाचो प्रभाव ताच्या दृश्टिकोणाचेर आनी जिणेच्या दर्शनाचेर पडटा. हे खातीर एकाच काळाच्या साहित्यकाराच्या दृश्टिकोणांत अंतर दिसता. ज्या मनशाक तो मेळटा त्या मनशांचो प्रभाव ताच्या मस्तिश्काचेर पडटा.

साहित्य कृतीचो फॉर्म म्हणल्यार साहित्य कृतीचें तंत्र, रचना आनी शैली ह्या भायल्या आंगांचेर हें सौंदर्य अवलंबून आसना. साहित्य कृतींत आशयांत, तातुंतल्या अणभव विश्वांतय तें पळोवंक मेळटा. म्हणटकच साहित्याची पारखणी करतना आकारांतलेंच सौंदर्या पळयना, जाल्यार साहित्यकृतीच्या आशयांतलें म्हणल्यार तातूंतल्यान प्रगट जाल्ल्या जिवनचित्रांतलें सौंदर्या पारखून साहित्य कृतीचें मोल थारता.

प्रत्येक कलाकृतींत एक प्रकारची समाजीक शक्ती आसता तातूंतल्यान मागीर जनमानसाचीं आंदोलनां करीत आसतात. अशे तरेन कला आनी समाजांत गरजेचो संबंध आसता. खंयचीय कला समाजाच्या प्रभावा कडल्यान मुक्त रावंक शकना. पूण साहित्य आनी समाजाचो गरजेचो संबंध सरळ नासून तो अनिश्चित वा कठीण जाता. जे तरेन समाजांत रावन कलाकार कलेची सृश्टि करता, आपल्या मूळ आदर्श वा परंपरां बरोबर बदलत आसता, तेच तरेन भौतिक अस्तित्वाचो संबंद जित्या मनशाडेन आशिल्ल्यान कलाकार बदलत रावता. पूण साहित्य आनी समाजाचे परस्पर संबंध इतिहासा बरोबर बदलत रावतात. साहित्य म्हणल्यार सगळ्यांच्या हिताचें जें आसता तें साहित्य.

जर साहित्यांत समाजाखातीर बरें कितें आसा जाल्यार ताचो समाजाचेर बरो परिणाम जाता. साहित्यांत जर विकृत आनी अनैतीक अशे तरेचें कितें आसा जाल्यार वाचक वर्गाचेर ताचो वायट परिणाम जाता. साहित्यांत सौंदर्याची समज रचनाकाराक समाजांतल्यान प्राप्त जाता. हेच खातीर साहित्याक समाजांकडल्यान पयसांवक शकनात. साहित्य समाजाचो हारसो आसता. जातूंत समाजाचें पडबिंब आमकां

दिसता. साहित्यकार जें अणभवता तें तशाक तशें चित्र प्रस्तुत करतात. कांय समाजांत आदर्श स्थापन करपाक मुखवटो धारण करून आदर्श लोकांविशीं उलयतात. तशेंच कला परिस्थिती अनुसार यर्थाथ चित्राचें सदृश सांकेतीक, सूक्षिम वा प्रतीकात्मक शब्दावलीच्या योग्य स्थितीचें चित्रण करतात. आज समाजशास्त्र अध्ययन एक खाशेलो गिन्यानाचो फांटो आसा. समाजशास्त्राच्या सिद्धांताच्या आधाराचेर खंयच्याय कृतीचें विश्लेषण करूं येता.

# संदर्भ सूची आनी टिपो

[1] डॉ. तिवारी गोरख नाथ, अन्तिम दशक के हिन्दी उपन्यासों का समाजशास्त्रीय अध्ययन, अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर, पयली आवृत्ती, २००८, पान १९.

[2] डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, अमृतलाल नागर के उपन्यासों का समाजशास्त्रीय अध्ययन, वैशाली प्रकाशन, बख्खीपुर गोरखपुर, वर्ष-१९९३, पान ७.

[3] डॉ. शर्मा ज्ञान चन्द, हिन्दी कहानी में वर्णित सामाजिक यथार्थ, राधा पब्लिकेशन नई दिल्ली, पयली आवृत्ती १९९६, पान १४१.

[4] डॉ.तिवारी गोरख नाथ, २००८, पान १९.

[5] राय सरिता, कबीर तुलसी की समाजीक दृष्टि का तुलनात्मक अध्ययन, वाणी प्रकाशन नयी दिल्ली, १९९३, पान १७.

[6] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, समाजशास्त्र के मूल सिध्दान्त, प्रकाशन डिस्कवरी पब्लिशिंग हाउस, नई दिल्ली, २००६, पान १.

[7] पटेल राजेश भाई अ., निराला के उपन्यासों में सामाजिक चेतना, ज्ञान प्रकाशन, कानपुर, पयली आवृत्ती, २००६, पान १३.

[8] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ३.

[9] "Voluntary association of individuals for comman ends especially an organised group living or working together because of a community or interest or beliefs or a common profession"

[10] डॉ. देशमुख दिलीप, विद्या निवास मिश्र का निबन्धालोक, विद्या प्रकाशन- कानपुर, २००६, पान ३०.

[11] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ३.

[12] डॉ ठाकुर देवेश, साहित्य की सामाजिक भूमिका, संकल्प प्रकाशन मेरठ, १९८९, पान ९.

[13] We may for our purposes here define a society as an permanant or continuing grouping of men, women and children, able to carry on independently the process for racial perpetual and maintenance of their cultural level.

[14] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान १६.

[15] Just as life is not a thing but a process of living, so society is not a thing but a process of associating

[16] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान १६.

[17] मनुष्यों के समूह को समाज नहीं कहा जाता

[18] डॉ नगेन्द्र च्या मत्ता प्रमाण - समाज से अभिप्राय- सामुदायीक जीवन की अनवरत एवं नियामक व्यवस्था से है, जिसका निर्माण व्यक्ति पारस्परिक हित तथा सुरक्षा के निमित्त जाने अनजाने में कर लेते है।

[19] डॉ त्रिपाठी नागेश राम, १९९३, पान ७.

[20] web of social relationship

[21] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान २.

[22] डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, १९९३, पान ७.

[23] डॉ. गायकवाड सुरेश, जैनेन्द्र के कथा साहित्य में चित्रित सामाजिक समस्यायें, साहित्य रत्नाकार, कानपुर, प्रथम संस्करण - १९९१, पान ४७ – ४८.

[24] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान १७.

[25] तत्रैव, पान ६.

[26] डॉ. नाडगोंडे गुरूनाथ, सामाजिक संशोधन पध्दती, फडके प्रकाशन कोल्हापूर, १९८६, पान २.

[27] तत्रैव

[28] तत्रैव

[29] तत्रैव

[30] Science is the way of investigation

[31] Science is scienteing

[32] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, पान ३२.

[33] Science is a certain way of looking at the world

[34] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ३३.

[35] डॉ. नाडगोंडे गुरूनाथ, सामाजिक संशोधन पध्दती, फडके प्रकाशन कोल्हापूर, १९८६, पान ३.

[36] तत्रैव पान ६.

[37] तत्रैव, पान ७.

[38] Smith Ronald W, Preston Frederick W, Sociology An Introduction, St Martin Press New york ,1977, pg. 5

[39] संपा. डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी विश्वकोश खंड ४, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव, २०००, पान. ८२३.

[40] डॉ. नगेंद्र, साहित्य का समाजशास्त्र, नॅश्नल बुक पब्लिशिंग हाऊस दिल्ली, वर्स दिवूंक ना, पान १.

[41] तत्रैव, पान ३.

[42] संगवे विलास, समाजशास्त्र, पोप्युलर प्रकाशन मुंबई, १९७३, पान १

[43] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ३६.

[44] संगवे विलास, १९७३, पान २.

[45] डॉ त्रिपाठी नागेश राम, १९९३ पान ८.

[46] संगवे विलास, १९७३, पान ३.

[47] तत्रैव, पान ४.

[48] डॉ मायी सुनील, समाजशास्त्र, प्रशांत पब्लिकेशन्स् जळगाव, मे २००२ पान ९.

[49] संगवे विलास, १९७३, पान १६.
[50] डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, १९९३, पान २०.
[51] संगवे विलास, १९७३, पान १६.
[52] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान २२.
[53] संगवे विलास, १९७३, पान १७.
[54] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान २२.
[55] Ritzer George, Sociological Theory 3rd Edition, McGraw Hill University of Maryland , 1992, pg. 14.
[56] संगवे विलास, १९७३, पान १७.
[57] गजेंद्रड व्ही.एन, समकालीन भारतीय समाजशास्त्र, फडके प्रकाशन कोल्हापूर, २०००, पान ७५.
[58] तत्रैव, पान ७६.

[59] तत्रैव, २०००, पान १००.

[60] तत्रैव, पान १२४.
[61] मिश्र शिवकुमार, दर्शन, साहित्य और समाज, अरुणोदय प्रकाशन दिल्ली, १९९२, पान १५.
[62] संगवे विलास, १९७३, पान २३.
[63] तत्रैव, पान २४.
[64] तत्रैव, पान २५
[65] तत्रैव, पान २६.
[66] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ५३.
[67] तत्रैव, पान ५४.
[68] संगवे विलास, समाजशास्त्र, पोप्युलर प्रकाशन मुंबई, १९७३, पान ४.

[69] तत्रैव, पान ५.

[70] तत्रैव, पान ६.

[71] तत्रैव, पान १०.

[72] डॉ. नाडगोंडे गुरूनाथ, १९८६ पान १२.

[73] संगवे विलास, १९७३,पान ४१.

[74] डॉ. वर्मा ओ. पी, समाजशास्त्र की मूल अवधारणाएँ, विकास प्रकाशन, कानपुर, २००४, पान ५९.

[75] तत्रैव, पान ६०.

[76] संपा. केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ म्हाड्डोळ, गोंय, श्री. श. फडके, जुलय, २००५, पान ९.
[77] संगवे विलास, १९७३, पान ४२.
[78] तत्रैव, पान ४३.

[79] तत्रैव, पान १.

[80] तत्रैव, पान ३४.

[81] तत्रैव, पान ३५.

[82] तत्रैव, पान ४४.

[83] तत्रैव, पान २२.
[84] तत्रैव, पान २३.

[85] तत्रैव, पान ४५.

[86] तत्रैव, पान ४६.

[87] तत्रैव, पान ४७.
[88] तत्रैव, पान ४८.

[89] पृथिव्या ओषधयः। ओषधिभ्योऽन्नम्।अन्नात्पुरुषः।

[90] संपा. जोशी महादेवशास्त्री, भारतीय संस्कृतिकोश खंड ३, माननीय श्री का. र. दामले, नायब राज्यपाल, गोवा, दमण व दीव पणजी, गोवा, १८८७, पान ६२६.
[91] संगवे विलास, १९७३, पान ४९.

[92] तत्रैव, पान ५०.

[93] तत्रैव, पान ५०.

[94] संपा. डॉ. सरदेसाय मनोहराय, कोंकणी विश्वकोश खं. १, गोवा विश्वविद्यालय, गोंय, १९९१, पान २५९.

[95] संगवे विलास, पान ५१.

[96] तत्रैव, पान ५१.

[97] तत्रैव, पान ५३.

[98] तत्रैव, पान ५४.

[99] डॉ. वर्मा. ओ. पी, २००४, पान ६०.

[100] गोयल राधिका, समाजशास्त्र के सिध्दांत, बुक एनक्लेव, जैन भवन, जयपुर, २००७, पान ७१.

[101] संपा. डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९८६-८७, पान ५.

[102] डॉ नगेंद्र, साहित्य का समाजशास्त्र, नॅश्नल बुक पब्लिशींग हाऊस दिल्ली, वर्स दिवूंक ना पान ४/५.

[103] संगवे विलास, पान ११.

[104] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ६५.

[105] डॉ. गायकवाड सुरेश, १९९१, पान ७३.

[106] संपा. चौसाळकर अशोक, धर्म, समाज, आणि राजकारण, प्रकाश विश्वासराव, मुंबई, २००४, पान १.

[107] संगवे विलास, १९७३, पान ११.

[108] संपा. चौसाळकर अशोक, धर्म, समाज, आणि राजकारण, प्रकाश विश्वासराव मुंबई, २००४, पान २.

[109] संगवे विलास, १९७३, पान ११.

[110] तत्रैव, पान १२.

[111] तत्रैव, पान १३.

[112] तोमर देवेन्द्र पाल सिंह, २००६, पान ६७.

[113] डॉ, शास्त्री मंगलदेव, भारतीय संस्कृति का विकास वैदिक धारा, भरतीय ज्ञानपीठ, २००३, पान ३७.

[114] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३७७.

[115] संस्कृति उतराचो सर्वमान्य अर्थ 'परिष्कृत' वा 'परिमार्जित' करप. ह्या आनीक संस्कृती उतराचे अर्थ आसात देखीक-शुद्धि, सुधार, परिष्कार, निर्माण, सजोवप, सभ्यता वा आचारणगत परम्परा.

[116] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान ३१.

[117] श्रीवास्तव एम. पी, प्राचीन भारतीय संस्कृति कला और दर्शन, एशिया प्रकाशन इलाहाबाद, वर्स दिवूंक ना, पान १.

[118] संस्कृत उतराचो अर्थ असो जाता. गणेश शर्माच्या संस्कृत धातुकोशा प्रमाण 'कृ' धातुच्या बरोबर सम उपसर्ग पयली 'सुट' येता आनी "स्कृत" धातुचो अर्थ जाता एकटांय करप.

[119] भट्ट वी. वेंकटरमण, विद्यानिवास मिश्र के निबंध साहित्य का सांस्कृतिक अनुशीलन, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव, १९९९, पान १०८.

[120] आप्टे वामन शिवराम, संस्कृत -हिन्दी कोश, अमर पब्लिकेशन वाराणसी, १९९६ , पान ३००.

[121] संपा डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी विश्वकोश खंड ४, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, २०००, पान ८०६.

[122] केळेकार गुरूनाथ, इंग्लीश- कोंकणी शब्दकोश, Focus Press (P) Ltd, १९९७, पान १०४.

[123] डॉ. वर्मा ओ. पी, २००४, पान २०८.

[124] श्रीवास्तव एम. पी, प्राचीन भारतीय संस्कृति कला और दर्शन, एशिया प्रकाशन इलाहाबाद, वर्स दिवूंक ना, पान १.

[125] http://en.wikipedia.org/wiki/culture

[126] डॉ मायी सुनील, २००२ पान ८९.

[127] डॉ श्यमसुन्दर दासान हिन्दी शब्द सागर संस्कृतीक जियेवपाची रुढी अशें म्हणलां.

[128] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान १०८.

[129] श्रीवास्तव एम. पी, पान २.

[130]डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, साहित्यिक निबंध, मीनाक्षी प्रकाशन, मेरठ, नयी दिल्ली, वर्स दिवूंक ना, पान ४०१.

[131] संपा- रवीन्द्र केळेकार, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय, जाग, डिसेंबर २००२, कोंकणी साहित्याच्यो सांस्कृतीक शिमोः भोवंडे - वर्णन आनी ललीत निबंध, प्रियदर्शिनी सु. तडकोडकार, पान १२.

[132] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान १०८.

[133] डॉ. नाडगोंडे गुरूनाथ, १९८६, पान ४३.

[134] डॉ धीरेन्द्र वर्मा संपादीत केल्या हिन्दी साहित्य कोशा प्रमाण. संस्कृती शब्द सम उपसर्गा च्या बरोबर संस्कृत चे (डु) कृ (ञ) धातुंतल्यान जाता. जाचो अर्थ जाता निवळ वा परिष्कृत करप.

[135] संपा. डॉ. वर्मा धीरेन्द्र, हिन्दी साहित्य कोश भाग (१), १९८५, पान ७१२.

[136] केळेकार गुरूनाथ, १९९७, पान १०५.

[137] संपा. डॉ. हळर्णकार तानाजी, २०००, पान ८०६.

[138] डॉ. वर्मा ओ. पी, २००४, पान २०९.

[139] तत्रैव, पान २१३ -२१४.

[140] गजेंद्रड व्ही. एन, २०००, पान २०८.

[141] डॉ. वर्मा. ओ. पी, २००४, पान २१२ – २१३.

[142] केळेकार गुरुनाथ, 1997, पान ७५

[143] Civilization हो शब्द Latin शब्द civilis, civis ह्या विशेशणांतल्यान, ताचो अर्थ citizen असो मेळटा.

[144] (http://en.wekipedia.org/wiki/civilization)

[145] डॉ. वर्मा. ओ. पी, २००४, पान २१४.

[146] श्रीवास्तव एम. पी, प्रचीन भारतीय संस्कृति कला और दर्शन, एशिया प्रकाशन इलाहाबाद, वर्स दिवूंक ना पान १.

[147] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ११६.

[148] "दुर्जन परिहर्तव्यो विद्यायालंकृतो ऽ पि सन् ।

मणिन भूषितः सर्पः किमसै न भयंकर"

[149] भट्ट वी. वेंकटरमण, पान ११६.

[150] गजेंद्रड व्ही. एन., २०००, पान ४९.

[151] वर्मा रामचन्द्र, प्रामाणिक हिन्दी कोश, लोकभारती प्रकाशन, १९९७, पान ८२७.

[152] Civilization is the social process whereby societies achieve an advance stage of devlopment and organization

[153] (http://www.thefreedictionary.com/civilization)

[154] Our civilization is what we use, our culture is what we are.

[155] गजेंद्रड व्ही. एन., २०००, पान ४९.

[156] श्रीवास्तव एम. पी, पान ४.

[157] गजेंद्रड, व्ही. एन., २०००, पान ४९.

[158] तत्रैव, पान ५०.

[159] वर्मा रामचन्द्र, प्रामाणिक हिन्दी कोश, लोकभरती प्रकाशन, १९९७, पान ८१४.

[160] डॉ.वर्मा ओ. पी., २००४, पान २१६ – २१७.

[161] फ्रेंचींत आर्ट, लॅटिनांत आर्टेम वा आर्स कडेन संपर्क आसा. इंग्लीश कला श्ब्दाचो प्रयोग पयले फवट १३ व्या शेकड्यांत पयल्या चरणांत जालो.

[162] संपा. जोशी माहादेवशास्त्री, भारतीय संस्कृतिकोश खंड २, हस्ते केंद्रीय उपशिक्षण मंत्री श्री भक्तदर्शन नवी दिल्ली, १९६४, पान १६२.

[163] तत्रैव, पान १६०.

164 " साहित्य-संगीतकलाविहीन :"

165 संपा. जोशी माहादेवशास्त्री, भारतीय संस्कृतिकोश खंड २, हस्ते केंद्रीय उपशिक्षण मंत्री श्री भक्तदर्शन नवी दिल्ली, १९६४, पान १६२.

166 डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान ५३.

167 यादव सुनीता देवी, फणीश्वरनाथ रेणु के कथा साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, हिन्दी विभाग, १९९६ -९७, पान ४.

168 संपा. जोशी माहादेवशास्त्री, १९६४, पान १६१.

169 books.google.com, AlexandarVictoria D, sociology of arts, Blackwell publishing , oxford, 2003, pg 4

170 कलयति स्वस्वरूपावेशेन तत्तद् वस्तु

परिच्छिनत्ति इति कलाव्यापारः । (क्षेमराज -शिवसूत्रविमर्शिनी )

171 व्यञ्जयति कर्तृशक्ति कलेति तेनेह कथिता सा । (भोजराज - तत्वप्रकाश )

172 संपा. जोशी माहादेवशास्त्री, १९६४, पान १६२.

173 तत्रैव, पान १६५.

174 डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, १९९३ पान १४.

175 यादव सुनीता देवी, फणीश्वरनाथ रेणु के कथा साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, हिन्दी विभाग, १९९६ -९७, पान ८-९.

176 तत्रैव, पान ११.

177 डॉ. सिंह सुरेन्द्र, समकालीन आलोचनात्मक निबंध, अभिव्यक्ति प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण- १९९६, पान ८९.

178 भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ११६ – ११७.

179 तत्रैव, पान ११७.

180 डॉ. वी. डी. गुप्ता प्रमाण - लेखक एक समाजिक प्राणि है। उसका समाजीकरण, उत्पत्ति, अस्तित्व समाज पर ही निर्भर रहता है। उसकी अभिव्यक्ति भी समाज का आधार ग्रहण करती है। समाज में रहकर ही वह अपनी स्थिति को अर्जित करता है तथा उसके अनुरूप अपनी भूमिका का निर्वाह करता है। व्यक्ति होते हुए भी वह समाज से जुड़ा है...।

181 डॉ. गुप्ता एस. आर, उपन्यास का समाजशास्त्र, सीता प्रकाशन, मोती बाजार हाथरस (उ. प्र), १९९५, पान १७.
182 पटेल राजेश भाई अ, निराला के उपन्यासों में सामाजिक चेतना, ज्ञान प्रकाशन, कानपुर, पयली आवृती, २००६, पान १५.

183 संपा. सिंह गोपेश्वर, भक्ति आंदोलन के सामाजिक आधार, भारतीय प्रकाशन संस्थान नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण - २००२, पान १४२.

[184] कुळकर्णी अरविंद वामन, साहित्यविचार, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, दुसरी आवृत्ती - १५ जुलै १९९७, पान १२९.
[185] संपा. डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ मडगांव गोंय, चंद्रकांत केणी, १९८७ -८८ पान २०.
[186] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३५५.

[187] यादव सुनीता देवी, १९९६ -९७, पान १७.

[188] "जो रचेगा वही बचेगा"!

[189] मिथिलेश्वर, साहित्य की सामाजिकता, शिल्पायन प्रकाशन, दिल्ली, २००५, पान ४२.
[190] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान २५.

[191] आचार्य रामचन्द्र प्रमाण -ज्ञानराशि के संचित कोष का नाम साहित्य है। अरबी में साहित्य का अर्थ अदब है। आदर, नम्रता और शिष्टता। साहित्य शिष्टतापूर्ण होने के कारण अदब कहलाता है। साहित्य, साहित्यकार और मानव के एक अटूट सम्बन्ध होता है। अत एव साहित्य, साहित्यकार के हदय एंव मस्तिष्क की वह कलात्मक अभिव्यक्ति है, जिसमें मानव के हित का संवर्धन होता है।

[192] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान २५-२६.

[193] डॉ. शुक्ल उमा, साहित्यिक शोधः प्रविधि एंव व्याप्ति, अरविंद प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण - १९९०, (साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन, डॉ. त्रिवेदी रामप्रसाद) पान ४१.

[194] तत्रैव, पान ४२.

[195] डॉ. शुक्ल उमा, साहित्यिक शोधः प्रविधि एंव व्याप्ति, अरविंद प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण - १९९०, (साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन, डॉ. त्रिवेदी रामप्रसाद) पान ४८.

[196] डॉ. शुक्ल उमा, साहित्यिक शोधः प्रविधि एंव व्याप्ति, अरविंद प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण - १९९०, (समाज व साहित्य का संबंधः १९ शताब्दी के काव्य - संदर्भ मं, डॉ. छेड़ा माधुरी) पान ४९.

[197] डॉ. सिंह सुरेन्द्र, समकालीन आलोचनात्मक निबंध, अभिव्यक्ति प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण १९९६, पान ११०.
[198] गुप्ता रमणिका, दलित चेतना साहित्यिक एंव सामाजिक सरोकार, समीक्षा पब्लिकेशन्स, दिल्ली, २००४, पान ४०.
[199] 'सहितस्य भावः सहित्यम्'
[200] डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, साहित्यिक निबंध, मीनाक्षी प्रकाशन, मेरठ, नयी दिल्ली, वर्स दिवूंक ना, पान ६७.

[201] नालन्दा मानक हिन्दी कोश - किसी भाषा या देश के उन समस्त ग्रंथों, लेखों आदि का समूह अथवा सम्मिलित राशि जिनमें स्थायी उच्च और गूढ़ विषयों का सुन्दर रूप से विवेचन हुआ है।

[202] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान २६.
[203] We may properly define imagination or imagining as thinking of remote objects
[204] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान २८-२९.
[205] Theory of Reflection
[206] डॉ. क-हाडे सदा, साहित्य विश्लेष, स्वरूप प्रकाशन, औरंगाबाद, पयली आवृत्ती - जानेवारी १९९९, पान २७.
[207] Base and super structure
[208] डॉ. क-हाडे सदा, १९९९, पान २८.

[209] डॉ. क-हाडे सदा, समाज आणि साहित्य, प्रकाश विश्वासराव, लोकवांङमय गृह, मुंबई, दुसरी आवृत्ती - एप्रिल १९९९, पान १६.

[210] राकेश मोहन, साहित्य और संस्कृति, राधाकृष्ण प्रकाशन, नयी दिल्ली, १९९०, पान ९ — १०.

[211] डॉ. नगेन्द्र, साहित्य का समाजशास्त्र, नेशनल पब्लिशिंग हाऊस दरियागंज नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण - १९८२, पान ५.

[212] तेनच्या प्रमाण साहित्य हें वंश (race), युगप्रवृत्ती (moment), परिस्थिती (milliue) ह्या तीन घटकांच्या परिणामांतल्यान निर्माण जाता.

[213] पाध्ये दिगंबर, साहित्य, समाज आणि संस्कृती, प्रकाशक विश्वासराव, न्यू एज प्रिंटिंग प्रेस, भूपेश गुप्ता भवन, मुंबई, जुलै १९९८, पान ८.

[214] पाण्डे मैनेजर, साहित्य के समाजशास्त्र की भूमिका, हरियाणा साहित्य अकादमी चण्डीगढ़, १९८९, पान ८.

[215] तत्रैव, पान १२ -१३.

[216] पाध्ये दिगंबर, साहित्य, १९९८, पान १९.

[217] डॉ. सोमण अंजली, साहित्य आणि सामाजिक, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, पयली आवृत्ती - १९८९, पान २१.

[218] डॉ. गुप्ता एस. आर, उपन्यास का समाजशास्त्र, सीता प्रकाशन, मोती बाजार हाथरस (उ. प्र), १९९५, पान ३१.

[219] पाध्ये दिगंबर, साहित्य, १९९८, पान ७.

[220] डॉ. नगेंद्र, १९८२, पान १० — ११.

[221] "साहित्य के समाजशास्त्रीय व्याख्याता का असली दायित्व है लेखक के काल्पनिक पात्रों और घटनाओं का उनके ऐतिहासिक परिवेश के साथ संबंध स्थापित करना। उसे प्रतिपाद्य विषयों और शैलीगत उपरकणों के व्यक्तिगत समीकरणों को सामाजिक समीकरणों में बदलना या घटना होता है।"

[222] डॉ. नगेंद्र, १९८२, पान १३.

[223] साहित्य - साहित = सहित + यत् प्रत्यय 'साहित्य' चो अर्थ आनी शब्द, म्हणल्यार सहभाव, बरोबर आसप.

[224] संपा. वर्मा धीरेंद्र, हिन्दी साहित्य कोश भाग १, ज्ञानमण्डल वाराणसी, १९८५, पान ७६४.

[225] यादव सुनीता देवी, १९९६-९७, पान १६.

[226] डॉ. सोमण अंजली, १९८९, पान २४.

[227] तत्रैव, पान २६.

[228] डॉ. नगेन्द्र, १९८२ पान १५७ .

[229] मानवी मूल्यां मनशाक केंद्र करतात. मानव - मूल्यांच्या प्रमाण विश्व- प्रपंचाचें मूल्य सत्य आसता. मनशाचो उत्कर्श हें जीवन मूल्य आसता. मानव - मूल्य धर्म - सापेक्ष आनी धर्म निरपेक्ष आसता.

[230] डॉ. नगेन्द्र, १९८२ पान १५८.

[231] ठाकुर देवेश, १९८६ पान ७१.

[232] डॉ. कौशिक हेमराज, मूल्य और हिन्दी उपन्यास, निर्मल पब्लिकेशन्स, दिल्ली, २०००, पान ६७.

[233] तत्रैव, पान ६८.

[234] डॉ. देशमुख अरुण, साहित्याचे मर्मबंध, विजय प्रकाशन, नागपूर, प्रथम संस्करण २०००, पान १२४.

[235] डॉ. सिंह बच्चन, साहित्य का समाजशास्त्र, लोकभारती प्रकाशन महात्मा गांधी मार्ग इलाहबाद, (२) सं १९९८, पान ८८.
[236] तत्रैव, पान ९०.

[237] तत्रैव, पान ९२.

[238] पाण्डे मैनेजर, १९८९, पान ३.

[239] डॉ लाल कश्मीरी, साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन कथा - संदर्भ, भावना प्रकाशन पटपडगंज दिल्ली, १९९३, पान ८.
[240] प्रेमशंकर, भक्तिकाव्य का समाजदर्शन, वाणी प्रकाशन, नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण- २०००, पान १५.
[241] तत्रैव
[242] तत्रैव पान १६.
[243] तत्रैव, पान १९.

[244] तत्रैव, पान २०.

[245] डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, १९९३ पान १३.

[246] "De la Literature"
[247] डॉ. सिंह बच्चन, १९९८, पान १.
[248] डॉ. त्रिपाठी नागेश राम, १९९३ पान १३.

[249] सुनीता देवी यादव, १९९६ -९७, पान १५.

[250] डॉ त्रिपाठी नागेश राम, १९९३ पान १४.

[251] डॉ लाल कश्मीरी, १९९३, पान ११.

[252] डॉ गुप्ता मंजुला, हिन्दी उपन्यास समाज आनी व्यक्ती का द्वंद्व, सूर्य प्रकाशन नई दिल्ली, प्र सं १९८६ पान ४३.

[253] तत्रैव, पान ४४.

[254] तत्रैव, पान ४५.

[255] डॉ नगेन्द्र, पान ५

[256] डॉ ए. एस काजल, समाजशास्त्रीय अध्ययन का उद्देश, भाशा, पत्रिका दोन म्हन्यांत येवपी, सितंबर - अक्तूबर ९८, पान ७.

[257] तत्रैव, पान ८.

[258] तत्रैव ९८, पान ९.

[259] तत्रैव ९८, पान ११.

[260] नवोन्मेश्शालिनी

[261] चव्हाण गजानन, साहित्य और समाजशास्त्र, मधुमती पत्रिका मार्च २०००, पान ४१.

[262] तत्रैव, पान ४४.

[263] अभिर्निर्देशात्मक

[264] चव्हाण गजानन, मार्च २०००, पान ४५.

# २. निबंधाचें तात्विक विवेचन

## विशय प्रवेश

ह्या पुराय अध्यायांत निबंधाविशीं खोलायेन सोदवावर केला. ह्या अध्यायांत निबंधाचो अर्थ, परिभाशा, महत्व दिवपाचो यत्न केला. निबंधाचो इतिहास आनी गोंयच्या कोंकणी निबंधाच्या प्रवासाचेर उजवाड घातला. निबंधाक उदरगतीच्या तेंगशेर व्हरपी दिसाळीं आनी नेमाळीं हांचो सोद घेतला. निबंधाचीं तत्वां आनी प्रकार दिल्यात. समाजाच्या नदरेंतल्यान निबंधाचें उपयोजन कशें जाला हाचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला. तेच तरेन निबंधाचो उद्देश सांगपाचोय यत्न ह्या अध्यायांत केला.

एक काळ असो आशिल्लो लघुनिबंध हो साहित्याच्या प्रकारांत आसपाविल्लो आसलो पूण कांय काळा ऊपरांत ताचो ललीत गद्य म्हणल्यार कथा, कादंबरी, नाटक आनी कविता हातूंत आसपाव जाल्लो दिसून येता. लघुनिबंध जल्माक येवन लेगीत तातूंत अशे कांय गूण दिसूंक लागले की तांचें परिवर्तन ललीत निबंधांत जालें. कित्याक तर आयज ललीत लेखनांत सांगतल्याक चडांत चड महत्व आसा. आनी सांगता सागंता ताचें व्यक्तित्व एक जीव जाता हे खातीर ताका ललीत म्हणलां.[१] पयलीं निबंध साहित्य म्हणल्यार कितें तें समजून घेवंया.[२],[३] निबंध ल्हान रचना आसून लेगीत तातूंत विचारांची गती आसपाक जाय. जे निबंधांत विचार मांडटात ते खरे दिसपाक जाय. पूण निबंध कितें ह्या प्रस्नाचेर खंयच्याय विद्वानाचें एक मत ना. कोण निबंधाक व्यक्तिगत विश्लेशण म्हणटात, ताका कोण सिमीत आकारांत निर्मित आत्मीय विवेचन मानतात, कोण बुद्धिंतल्यान उत्पन्न जाल्ले अप्रांजल रचनेक निबंध मानतात तर जातूंत सुखद खाशेले जे विचार क्रमबद्ध येतात ताका निबंध म्हणूं येता अशें कांय जाण मानतत. पूण बारिकसाणेन पळयलें जाल्यार निबंध एक असो साहित्य प्रकार जातूंतल्यान भाव, रोचकता, आनी मनोरंजक वर्णन जाता. फूडें निबंधाच्या तत्वांनी लेगीत अशेच तरेन जायते मतभेद आसात. कोण चार तत्वां मानतात तर कोण स तत्वां मानतात. कोण सात तत्वां लेगीत मानतात.[४] निबंधाची अन्तरात्मा आनी बाह्य संरचना पळोवन, शेवटाक अशें लक्षांत येता की निबंधांत चिन्तन  मननाक प्राधान्य आसता  हे खातीर निबंध हें बुद्धितत्व थारता. ह्याच बुद्धितत्वाच्या आदारान निबंधकार वेगवेगळ्या विशयांचेर चिन्तन मनन करता आनी रचना तयार करता.[५] लघुनिबंध हो फोडणीच्या भाता प्रमाण पचपाक सोपो, पूण रुचिन सुवादीक आसूंक जाय. जर खंयचीय घटना पळयली जाल्यार ताचेर गंभीर विचार सूचतात, तेन्ना ताचें रूपांतरण निबंधांत वा प्रबंधांत जाता. पूण

जेन्ना मजेचे विचार लघुनिबंधांत सूचतात तेन्ना लघुनिबंध हो वाचप्याकडेन इश्टागत करता आनी तांकां मनसोक्त आनंद दिता.[६] खंयच्याय गद्य बरपाक निबंध म्हणूं येना कित्याक तर निबंधांत निबंधकाराच्या शैलीक मुखेल महत्व आसता. निबंधकार आपल्या शैलींत निबंधाची रसपूर्ण अभिव्यक्ती करता. हेच खातीर शैलीचें महत्व आसता आनी ते खातीर शैलीचे वेग वेगळे प्रकार मानतात.[७] ह्या निबंध साहित्याचें खोलायेन अध्ययन करप गरजेचें थारता. खंयच्याय साहित्यकाराच्या प्रतीभेचें मूल्यांकन निबंधाच्या निर्मीतीचेर आसता. हाचो अर्थ एके वाटेन निबंधकार मनशांच्या चेतनेचेर आनी भावात्मकतायेचेर बरयता आनी दूसरेवटेन जनविश्वाचें यथार्थ चित्रण करता. निबंधाच्या गद्यांत संपूर्ण बळ, तीव्रता प्रवाह, आनी अर्थविस्तार आसता. निबंध गद्याक चडांत चड प्राण दिता.[८] फूडें निबंधाचो अर्थ व्याप्ती, परिभाशा आनी महत्व पळोवंया.

## २.१ निबंध - अर्थ, व्याप्ती, परिभाशा आनी महत्व

कल्पनेच्या ग्रंथ रचनेक प्रबंध म्हणू येता. दूसरे वाटेन परम्परानुमोदकाच्या खंयच्याय विशयाच्या कथ्याक गद्य वा पद्य प्रस्तुतीकरणाक प्रबन्ध म्हणू येता. हळू हळू हो शब्द काव्या खातीर उपयोगांत येवंक लागलो देखीक- प्रबंध काव्य. पूण तो मागीर रूढ जांवंक लागलो वाल्मीकी रामायण प्रबंध काव्य आसा, दण्डीचें दश्कुमार चरित प्रबंध काव्यात्मक आसा. पूण आयज निबंध आनी प्रबंध दोनूय आपल्या मूळ वा रूढ अर्थांत प्रयुक्त जायनात. आयच्या रूपान प्रबंधाचो उपयोग अशा गद्य रचने खातीर जाता जाचो विस्तार भाशाशैलींत विवेचन करतात. हाका इंग्लीश भाशेंत ट्रीटाइज आनी थीसिस असो समानार्थी शब्द वापरतात. देखीक, प्रबंध काव्य. निबंधाचें पर्यायचें रूप प्रबंधांत लेख, सन्दर्भ, रचना आनी प्रस्ताव शब्दा खातीर प्रचलीत आसा. लेख मूळ अर्थांत पूर्णपणान बरयल्ल्या बरपांत आसतात. ह्या बरपांत लेखक पूर्णपणान बरयता पूण वास्तवांत जातूंत लेखक बरयता तातूंत तो सामको निर्वेयक्तिक तरेन शास्त्रीय पद्धतीन बरयता. इंग्लीश भाशेंत ताका आर्टीकल म्हणटात. हातूंत लेखक प्रसंग बांधता, विणटा वा व्यवस्थित संकलन करता. निबंध रूपांत अशे तरेचें गद्य रूप आसा जातूंत खंयच्याय विशयाचेर, प्रसंगाचेर विचार प्रकट करतात. रचनेचो मूळ अर्थ कृती खातीर आसता. निबंधाचो अर्थ असो खंयच्या विशयाचेर वस्तुपरक स्वरूप, प्रकृती, गूण दोश दृश्टींतल्यान बरयल्लि गद्यात्मक अभिव्यक्ती आसा. इंग्लीश भाशेंत ताका कम्पोजीशन म्हणटात. पूण आज निबंध असल्या रूढ अर्थांतल्यान भिन्न अर्थांत प्रयुक्त जाला. निबंध खरें पळोपाक गेल्यार लैटिन भाशेंत एग्जीजियर, फ्रेंच भाशेंत एसाइ, वा इंग्लीश भाशेंत एस्से जाता. जाचो

शाब्दीक अर्थ प्रयत्न, प्रयोग वा परीक्षण जाता. निबंधकार आत्मीयता, अनात्मीयता, वैयक्तीकता वा निर्वेयक्तिक जावन खंयच्याय एका विशयाच्या अंशाक वा प्रसगांत आपल्या निजाच्या भाशाशैलींत भाव आनी विचार प्रकट करतात.[९] शुक्ल हांणी पाश्चात्य एस्सेचीं सामान्य लक्षणां अशे तरेन सांगल्यांत. आधुनीक पाश्चात्य लक्षणां प्रमाण निबंध जाका म्हणटात तातूंत व्यक्तित्व म्हणल्यार व्यक्तिगत विशेशताय आसूंक जाय. व्यक्तिगत विशेशताय म्हणल्यार ताचो अर्थ असो न्हय कि तातूंत प्रदर्शना खातीर विचार दवरी नासतना जाणा जावन ते पयस करप.[१०,११,१२] आनंद यादव प्रमाण निबंध ही तर्कसंगतीच्या वाटेन वा विचारांक महत्व दिवपाच्या हेतून विकसीत जाल्ली अवस्था. लघुनिबंध ही विचारां परस ते विचार ज्या अणभवांतल्यान सुचतात त्या अणभवांक महत्व दिवून त्या दिशेन विकसीत जाल्ली अवस्था आसता.[१३] 'चडशा भाशांनी सगळ्यांत पयलीं काव्य, कथा, कादंबरी, नाटक आनी मागीर निबंधाचो विकास जाला. निबंध अशे तरेचो साहित्य प्रकार जातूंत लेखक आपल्या स्वताक केन्द्रीत करून विशय हाताळटा.[१४] खंयच्याय साहित्यकाराच्या प्रतीभेचें मूल्यांकन निबंधाच्या निर्मीतीचेर आसता. हाचो अर्थ असो जालो की एक वाटेन मनशांच्या चेतनेचेर आनी भावात्मकतायेचेर बरयता आनी दूसरेवटेन जनविकासाचें यथार्थ चित्रण करता. निबंधाच्या गद्यांत संपूर्ण बळ, तीव्रता, प्रवाह, आनी अर्थविस्तार आसता. निबंध गद्याक चडांत चड प्राण दिता.[१५] कित्याक तर निबंधांत जे विचार मांडटात तांचो पयली विचार बुद्धिंत जाता. सगळ्यांत पयलीं अणभवी समजीकायेचे विचार निबंधांत मांडप जातात.

'निबंध' हो मुळांत तत्सम शब्द. तसो सोद घेवपाक गेल्यार निबंध संस्कृतांत अतिप्राचीन शब्द आसा. संस्कृत भाशेंत निबंधाचो कितें अर्थ आसा तें पळोवया. संस्कृतचो मूळ धातू 'बंध' हातूंत 'नि' उपसर्ग (नि + बंध) लावन दोन प्रत्ययांच्या योगांतल्यान जाला. वाचस्पति प्रमाण नि + बंध + धञ् हातूंतल्यान बांधप, आडावप, आनी संग्रह करप. आनी जटाधर प्रमाण नि+ बंध +अच् हातूंतल्यान कोडूलिंबाचो रास वा पान खाल्यार कुश्ट रोगाचो निरोध जाता.[१६] संस्कृत ग्रंथांनी निबंध शब्द मेळटा, सगळ्यांत पयलीं 'श्रीमद्भगवद्गीता' मेळटा. हातूंत श्रीकृष्णान निबंधाचो प्रयोग (आसुरी संप्रदायाक) बांधपाच्या रूपाच्या अर्थान घेतला. सातव्या शेकड्यांत 'वासवदत्ताच्या' मंगलाचरणांत ग्रंथ रचना, 'कादंबरींत' वैदग्ध (शब्द शिल्प) चमत्कार प्रदान रचना, जो साहित्यीक निबंधाचो प्रारंभीक संकेत आसा, आनी 'शिशुपालवधम्' हातूंत निबंध शाश्वतदान वा भाष्य ग्रंथ ह्या अर्थान आयला. आठव्या शेकड्यांत रचिल्लो 'न्यायमंजरी' ग्रंथ

रचना आनी 'तत्वदीपन' च्या मंगलाचरणांत निबंधाचो अर्थ साहित्यीक वा जायतीं लघु तत्वां संगृहीत रचना आसात.[१७] संस्कृत साहित्यांत आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदीचे विचार जाणून घेवया.[१८,१९] पुर्विल्ले संस्कृत साहित्य निबंध हो एक साहित्यांतलो वेगळो विशय. ह्या निबंधांत धर्मशास्त्रीय सिद्धांताच्या स्पश्टीकरणाची एक वेगळी तरा आसा जातूंत पयलीं खंयच्याय सिद्धांताचे वेगवेगळे दाखले दितात. जे लेखकाच्या मूख्य सिद्धांताक अनुसरून नासतात. पयलीं आयिल्ल्या शंकांचें निरसन करीत करीत सगळ्या शंकांचें समाधान जातकच मागीर आयिल्ल्या सिद्धांताचें स्पश्टीकरण करून कांय वेगळे दाखले दितात. देखून ह्या सगळ्या शंकांच्या निरसनाक निबंध म्हणटात. निबंध हो एक असो विशय जाचो विस्तार चड जांव येता. लेखक आपल्या सृजनात्मक कल्पने प्रमाण निबंध बरयतात. निबंध ल्हान आसूं येता, व्हड आसूं येता, चिंतनाच्या रूपान आसूं येता. तशें निबंध धर्मीक, इतिहासीक, भोंवडेवर्णन निबंध, संस्मरणात्मक निबंध, भाशा विशयक निबंध, कला विशयक निबंध, समीक्षात्मक निबंध, भावात्मक निबंध, सांस्कृतीक निबंध आनी वर्णनात्मक निबंध. निबंध उतर आज साहित्याच्या ज्या विधांच्या रूपांत प्रचलीत आसा ती हिन्दी साहित्याची नूतन विधा आसा. हाचो विकास पाश्चात्य साहित्याकडल्यान प्रभावीत जावन युगाच्या परिस्थितिंच्या परिणामस्वरूप जाता. निबंध शब्दाचो प्रयोग सगळ्यान पयली "भगवदगीता" बांदपाच्या अर्थान मेळटा. नियत; बन्धः निबन्धा हांगा श्री कृष्ण आसुरी संपदा बांधपाच्या अर्थांत निबंध शब्दाचो प्रयोग केला. निबंध शब्दाचो प्रयोग संस्कृत साहित्यांत प्राचीन काळासावन मेळटा. साहित्यांत उपलब्दकृती वा स्रोतरांच्या आधारांचेर वस्तुनिश्ठ स्वरूप अभिव्यक्त जातल्या कारणाक स्वतंत्र स्थळांक मानप योग्य जायना. प्राचीन काळांत लोक जेवणाच्या पत्रावळीर, ताड पत्र, कपडे, लाकडाच्यो पट्ट्यो, फातर हांचेर बरयताले.[२०] ह्या समजणी वेल्यान विचार केलो जाल्यार निबंध म्हणल्यार बांदिल्ले विचार. ह्या अर्थाच्या आधाराचेर 'निबंधा' कडल्यान अशें कळटा की विचारांक वा भावांक पूर्ण बांधतल्याक, एकत्र करतल्याक, संगठीत करतल्याक, जोडटल्याक वा आडावन दवरतल्याक निबंध म्हणूं येता. निबंधाचो अर्थ समजून घेतल्या उपरांत निबंधाच्या जाणकारांनी निबंधाची कितें परिभाशा दिल्या ताचेर उजवाड घालूंया.

## निबंधाची परिभाशा

बाबू गुलाबराय प्रमाण[२१,२२] निबंध अशा गद्य रचनेक म्हणटात जातूंत सीमित आकाराच्या भितर खंयच्याय विशयाचें वर्णन वा विवेचन एक विशय खाशेलपण, मुखतता, व्हडपण आनी आवश्यक संबंधांतल्यान

केल्लें आसता. आचार्य रामचन्द्र शुल्क प्रमाण[२३,२४] आर्विल्ल्या पाश्यात्य लक्षणां प्रमाण निबंध जाका म्हणू येता जातूंत व्यक्तित्व म्हणजे व्यक्तिगत खाशेलपण आसता. डॉ श्याम सुन्दर दास प्रमाण पांडित्यपूर्ण, विस्तार आनी खोल विचार येतात ताका निबंध लेखन म्हणूं येता.[२५] डॉ भगीरथ मिश्र प्रमाण[२६] अशे तरेची गद्य रचणूक जातूंत खंयच्याय विशयाचें साखळीबंध स्पश्टीकरण वा वयक्तिक भाव वा विचारधारांचें क्रमबद्ध म्होवाळ प्रकटीकरण आसता ताका निबंध म्हणटात. डॉ जयनाथ नलिन प्रमाण[२७] निबंध गद्य काव्याची अशे तरेची मर्यादित विधा आसा जातूंत लेखकाचे स्वाधीन चिंतन आनी पवित्र अणभवांचें सरळ, सजीव विवेचन आसता. श्री रामचंद्र वर्मा प्रमाण[२८,२९] खंयच्याय विशयाचें वा ताच्या खंयच्याय आंगाचें बरें अध्ययन करूंक नव्या आनी मौल्यवान तरेन ताचें थोडेभितर स्वतंत्र रुपांत स्पश्टीकरण करतना जो गूढ आनी अपेक्षीत स्पश्टीकरण लेख प्रस्तूत करतात ताका परिभाशीक क्षेत्रांत निबंध म्हणटात. निबंधाचें साहित्यांत स्थान कितें ह्या प्रस्नाचेर विचार करतना शुक्लजी प्रमाण[३०,३१] जर साहित्यांतलें गद्य कवी मुखार आशिल्लें आव्हान जाल्यार निबंध गद्य रचतल्याक आव्हान. खरें म्हणल्यार निबंध एक ल्हानशी रचना आसता. इंग्लीशींत प्राचीन काळांत चारशीं वा पांचशीं वर्सां पयलीं रचनांक निबंध हें नांव दिताले. लॉक की Essay on Human Understanding अशेच तरेची रचना आसा.[३२] न्यू ऑक्सफोर्ड डिक्शनरी प्रमाण[३३] निबंध खंयच्याय विशयाचेर वा विशयाच्या अंशाचेर साधारण विस्तारीत रचना आसा, सुरवातेक तातूंत अपूर्णतायेची भावना निर्माण जाता, पूण आतां ताचो प्रयोग सिमीत रचने खातीर आसता. शैली मात प्रौढ़ आनी संक्षीप्त आसता. डक्यु. एच. हडसन प्रमाण[३४,३५] निबंध वैयक्तिक आसतात. प्रबंध वस्तुपरक आसूं येता, पूण निबंध व्यक्तिप्रधान आसतात. डॉ. जॉनसना प्रमाण निबंध म्हणल्यार मस्तिश्काचो अनडाइजेस्टिड पीस म्हटला.[३६] निबंधाक कांय विद्वान ललीत निबंध म्हणलां तर डॉ संसारचन्द्र[३७,३८,३९], ह्या वैयक्तिक निबंधाच्या प्रकारांकूच ललीत निबंध मानतात. परिभाशेचेर उजवाड घालतकच कळाटा निबंध म्हणल्यार विस्तारान बरयल्ले विचार. फूडें Hallward आनी Hill हांणी Essay चें रूप अशे तरेन स्पश्ट केलां. 'The essay proper or literary essay is not merely a short analysis of a subject, nor a mere epitone, but rather a picture of wandering minds affected for the moment by the subject with which he is dealing. Its most distinctive feature is the egoistical elememt.[४०,४१,४२]

निबंधाक ललीत म्हणटात. लालित्य वर्ण्य हातूंत बाह्‌य आनी आभ्यंतर सौंदर्य समन्वित रूप आसा. बाह्‌य सौंदर्य इंद्रिय संवेदन आसता आनी आभ्यंतर सौंदर्य मन, बुद्धि, प्राण आनी आत्म्या कडच्यान आस्वाद घेता. बाह्‌य सौंदर्य चंचल आसून परिवर्तनशील आसता आनी आभ्यंतर सौंदर्य स्थिर आसूंन अपरिवर्तनीय आसता. काळाचो वा समयातिक्रमाचो हाचेर कांयच प्रभाव पडना, ताचो रसस्त्रोत केन्नाच सुकना[४३] काव्या वरी तातूंत लोकोत्तराह्‌लादजनक आसा, तातूंत ज्ञान आसवादन आनी रमणीयता आसा.[४४] ललीत ह्या शब्दाचो अर्थ समजल्या उपरांत ललित लेखनाचे घटक जाणून घेवप तितलेंच गरजेचें आसा. हे खातीर ते जाणून घेवया.

ललीत लेखनाचे घटक अशे आसात. १) शब्द २) वाक्य ३) परिच्छेद ४) प्रकरण. हे चार घटक ज्या लेखनाक आसतात ताका ललितलेखन म्हणूं येता. फूडें म्हणल्या प्रमाण, The method of word by word, sentence by sentence and paragraph by paragraph study will fit all prose, because it is impossible to have prose that dose not consist of these units[४५] रेने वेलेक आनी ऑस्टिन वॉरेन हांणी वाङमयाचे गद्य, पद्य आनी नाट्य अशे तीन प्रकार मानल्यात. गद्य ललीत वाङमयाचो साहित्यप्रकार (फॉर्म) आसा. तातूंतलो ललीत गद्य हो एक प्रकार. ललीत गद्याक ललीत निबंध अशी संज्ञा वापरतात. ललीत निबंध ह्या शब्दप्रयोगांतलो निबंध ह्या शब्दाचो अर्थ घट्ट असो, बंदिश असो सुचयता. ललीत गद्यांत अशे तरेची बंदिश नासता. हे पासत ललीत निबंध हो शब्दप्रयोग वापरप योग्य आसना.[४६] चडशा वेळार 'ललित गद्य' ह्या शब्दप्रयोगाबदला 'ललित लेख', 'आत्मनिष्ठपरक गद्य' अशे तरेचे शब्द प्रयोग ह्या प्रकाराक वापरतात. ललीत लेख हो उपप्रकाराक येवजिल्लो शब्द. 'आत्मनिष्ठपर गद्य' हो शब्द लालित्याची सूचना दिवूंक शकना आनी सुटसुटीत दिसना. हे पासत 'ललित गद्य' होच शब्द प्रयोग सोपेंपणापासत स्विकारला. सोपो जाल्यार 'ललित गद्य' हें विशेशण सौंदर्यशील अशा अर्थान ललित साहित्याक सदांच वापरतात. 'गद्य' ह्या शब्दांत 'बंदिश' अशा अर्थाची सुचना मेळना. 'ललित गद्य' ह्या शब्दप्रयोगांत 'उगडास अणभव', 'लघुनिबंध', 'प्रवासलेख', 'व्यक्तिचित्रां', 'ललित लेख' ह्या सगळ्या प्रकारांचो समावेश जाता.[४७] इंग्लीशींत ताका आमी Formless Form अशा शब्द प्रयोगांत वळखतात. म्हणल्यार ह्या प्रकारांतलें लेखन मेकळें, मुक्त प्रवृत्ती आशिल्लें, विस्तारशील स्वभावाचें आसता. देखून ताका आकारविहीनता प्राप्त जाल्ली आसता. अशा प्रकाराक ललीत गद्य

खंयचीय बंदिश सुचयनाशिल्लो, पूण ताची प्रकृती मात 'ललित' आसता हें दाखयतलो शब्दप्रयोग करप चड संयुक्तिक दिसता. निसर्गनिर्मित जिवंत वस्तू देखीक वाघ, मोर, आंब्याचें झाड आनी मनीस. तर्कशास्त्रिय पद्धतीन विवरण करुन वेगळे करून दाखोवपी


लक्षण कशें सांगूंक येता, तशें मानवनिर्मीत वस्तू देखीक खुर्ची, कूकर, घर, कला आनी रेडियो वेगळे करून दाखोवपी लक्षण सांगूक कठीण आसता. करण मानवनिर्मीत हेतू चडशे वेळार बदलतात. ते मानवी जीवनाबरोबर बदलत रावता. असल्या प्रवाही वस्तूचें योग्य वेगळे करून दाखोवपी लक्षण सांगप कठीण आसता. तें सांगप म्हणल्यार त्या त्या वेळा त्या वस्तूच्या वर्णनाचो एक भागूच जाता.

सारांश, साहित्यप्रकार हे मानवनिर्मीत आशिल्ल्यान ते ठाम आनी कायम एकाच स्वरुपाची संकल्पना जावंक शकनात. इतिहासाच्या ओघांत तिचो प्रवाह विकसीत जाल्लो पळोवपाक मेळटा. वस्तुस्थिती अशी आशिल्ल्यान साहित्याचे प्रकार उपप्रकार हांची व्याख्या कांय प्रमाणांत वर्णनात्मक उरता. तशें तें वर्णन तोमेरेनच्या काळांत निर्माण जाल्ल्या प्रकार उप प्रकारांक लागू पडूंक शकता. भविश्यांत तें लागू पडटलें हाची खात्री दिवूं येना.[४८] 'ललित गद्य' चो शब्दप्रयोग ज्या अर्थान आयज अभिप्रेत आसा त्या अर्थान १९५० उपरांत चड प्रचलीत जाल्लो. आधुनिक मराठी साहित्यांत 'नवसाहित्य' जेन्ना वळण घेता, तेन्ना तो आयच्या रुढार्थान वापरताले. 'ललित गद्य' ह्या साहित्य प्रकाराच्या कक्षेंत १९५० वर्सा पयलीं जाका आमी 'लघुनिबंध', प्रवास लेख, यादी, व्यक्ती चित्र, ललित लेख अशें संबोधिताले. नवसाहित्याच्या काळांत कलात्मकतेचें एक नवें मूलभूत भान मराठी साहित्यिकांक आयलें. साहित्यांत गांभिर्य आनी सौंदर्यशास्त्राचो विचार जांवंक लागलो. तातूंतल्यान साहित्यप्रकाराची नव्यान व्यवस्था आनी मांडणी कळत नकळत जांवंक लागली. परिणाम, रविकिरण मंडळकालीन कवितेचे जशे जायते प्रकार नामशेश जावन 'कविता' हो प्रकार उरलो, तशें 'ललित गद्य' ह्या शिर्शका सकयल वयल्या सगळ्या प्रकारांक निबंध पोटांत घेवन उबो आसा.[४९] ललीत निबंध म्हणल्यार आत्मपर लिखाण. हातूंतल्यान बरोवपी आपणाल्या मनांतल्यो प्रतिक्रिया उक्तायता. अशा ह्या आप उक्तावणेच्या बरपांत "हांव" झळकता. हातूंतलो हांव अडेचो नसता, खरेलो आसता, बरपांतल्यान हांव पयस जायना. जे तरेची परिस्थिती अणभवता, जो काळ जियेता, चिंतता, तोखेता आनी भोगता ताका तो उतरांनी रचता. निबंधाची व्याख्या करूंक जायतो यत्न जालो. पूण एक मत

ना. ताका आकाराचो बांध ना. विशयाचें बंधन ना. निबंध बरोवपी आपलो "personal point of view" आपलो आत्माविश्कार करता. आत्मपर अभिव्यक्तीच्या आधारान मेकळेपण, सादें उतर, सरळ बरप हेंच निबंधाचें खरें बरप. बरोवपी येता तशें बरयता. भीड-मुर्वत धरिनासतना कागदार आपले खरे अणभव मांडता.[५०] ललीत निबंधाचेर कांय विद्वानांचीं मतां जाणून घेवंया. डॉ प्रभाकर माचवे हाणी ललीत निबंधाक "आत्मनिबन्ध" म्हणलां.[५१] डॉ गंगाप्रसाद गुप्त व्यक्तिवादी निबंध मानतात.[५२] ललीत साहित्य म्हणल्यार समाजाचो इतिहास, इतिहासांत राजांच्या जल्माची आनी मर्णाची खबर येवन वता. ललीत साहित्य समाजाच्या मनांतल्यान लागणुकांचें चित्र आमचे मुखार दवरता. समाज कसो बदल्लो, खंय आसलो तो खंय पावलो, ताच्या मनाची खोलाय, ताच्या हावेसांची विशाळकाय, ताचे विकृतीचें हीणपण, ताच्या अभिमानाचें स्थान हें सगळें आमकां ललीत साहित्यांत पळोवंक मेळटा.[५३] ह्या सगळ्यांचेर विचार केलो जाल्यार अशें जाणवता, ललीत म्हणल्यार vision. जें जण एका मनशाच्या मनांत आसता. कोणाक तांक आसा तो मनीस सरळ ते vision उतरांच्या रुपांतल्यान कागदार रचता. ललीत साहित्य प्रस्न सोडयना, बोध दिता, तें निखटो आनंद दिता.[५४],[५५] निबंध हें मूळ संस्कृत भाशेंतलें उतर. ताचो अर्थ अशी साहित्यीक रचना जातूंत विचारांचें निबंधन जावप वा खंयच्या विशयावेल्या विचारांक सूत्रबध्द करप.[५६] ललीत निबंधाची भाशा पळोवया. हेर भाशांचे शब्द जे आमचे भाशेंत सहजतायेन घोळ्ळयात तांचो प्रयोग लेखकान करूं येता. ललीत निबंधकाराचें शब्द भांडार व्यापक आसपाक जाय. हेर भशेच्यो देखी दिवून लेखक आपली भाशा समृद्ध करुंक शकता. ललीत निबंधकाराच्या भाशेंत सहजता, सरलता, स्पश्टता, सशक्तता, लयात्मकता, प्रवाहमयता, चित्रात्मकता हे गूण आसपाक जाय. हे गूण आसत जाल्यार निबंध प्रभावी जावंक पावता.[५७] ललीत निबंधांत ललीत विशेशण जोडलां त्या अर्थाचेर उजवाड घालूंया.

ललीत - सुन्दर, रमणीय, सरळ, निर्दोष, ईप्सित, प्रिय, हालतें धोलतें. ललीत- वि. (ल्ल + क्त) क्रिड़ासक्त, फुलिल्लें, श्रृंगार प्रिय, स्वेच्छाचारी, मनोहर, रूचकर, लावण्यमय.[५८] अशे तरेन ललीत ह्या उतराचीं वेगवेगळीं रूपां पळोवपाक मेळटात.[५९] संस्कृत इंग्लीश डिक्शनरी ललीत म्हणल्यार कोमल  प्यारा म्हणलां ताचोय उल्लेख हांगा मेळटा. डॉ रामरतन भटनागरान  ललीत साहित्या विशीं कितें बरयला ताचेर उजवाड घालूंया.[६०],[६१],[६२] ललीत साहित्यांत साहित्यांतल्यो अशो बारिकसाणी येतात जातूंत निबंधाच्या सारापरस निबंधाचे भावनेक चड महत्व आसता. तेच तरेन मनशाच्या बुद्धीपरस काळजाक स्पर्शून वचपाची तांक

चड आसता. गद्य आनी पद्य ह्या दोनूय ललीत साहित्य प्रकारांत लालीत्य आसता ह्या साहित्यांतली सोबीतकाय म्हणल्यार अशी वृत्ती जी भरत मूनीच्या नाट्यशास्त्रांत जाका क्रिडनीयक म्हणटात. मनशाक थाकाय दिवप आनी उमेद हाडप हेवूय साहित्याचे हेतू मानतात पूण हेवूय तितलेंच खरें की ललीत साहित्यांत भितर कलात्मकता सौदर्य काल्पनीकता आनी भावना आविशकार हाका तितलेंच महत्व आसता.[६३],[६४] ललीत कला अशेतरेचें कौशलपूर्ण ललीत आसता जें पळोवप्यांच्या अंतस्करणाची भूक भागयता.[६५] हे सगळे अर्थ नदरेखाला घालतकच ललीत म्हणल्यार जें रमणीय आसा तें ललीत अशें जाणवता. ललीत कितें हे चड स्पश्टपणान समजपाक हो आलेख पळोवया.




[६६]

## निबंधाचें महत्व

मनीस ज्ञानी आसा तो ज्या वस्तूंक पळयता वा आयकता तांचेर आपलो निर्णय दिता. ताचो निर्णय त्या वस्तुच्या संबंधांत रूप धारण करता. त्याच मताक फुडले पिळगेक वळख करून दिवच्या उदेशान आपल्या मताक निबन्धन करतात. ज्ञानाच्या धारेक प्रवाहीत दवरपाक निबंधांत व्यक्त भाव उकतायतात. निबंधाच्या माध्यमांतल्यान लेखक आपले विचार सुसंगत पद्धतीन अभिव्यक्त करतात. निबंध बरोवपाची एक क्रिया आसा आनी हेंच बरप मनशाक पूर्ण करता.[६७],[६८] हेच खातीर निबंधाक महत्व थारता.

## २.२ निबंधाचे प्रकार

निबंधचे तीन वर्ग आसात.

१. कथात्मक (आख्यानात्मक नैरेटिव), २.वर्णनात्मक (डिस्क्रिप्टिव), ३. चिन्तनात्मक (रिफ्लेक्टिव)

१. कथात्मक (आख्यानात्मक नैरेटिव) निबंधांत काल्पनीक इतिवृत्त, पौराणीक आख्यान, आत्मचरित्रात्मक, वृतान्त वा इतिहासीक, प्रतीकात्मक काल्पनीक वा जायत्या प्रकाराच्या काणयांचो उपेग करूं येता.

२. वर्णनात्मक (डिस्क्रिप्टिव) निबंधांत प्राकृतीक दृश्य वा मानव जीण संबंधीत खंयच्याय घटनांचें वर्णन जांव येता.

३. चिन्तनात्मक (रिफ्लेक्टिव) निबंधांत विशयाक मानव जीवन जायतीं कार्यां, व्यापार, पूण चिन्तन प्रधान निबंधांत भावनांक मुख्य आधार करतात. विचार वा भावनांक सहज समन्वय वाचप्याच्या मनाक लेखक हात घालतात. निबंध गद्य कसवटी आसा.[६९] चड करून वयर दिल्ल्या प्रकारांचें वर्गीकरण जाता. पूण वेग वेगळे विद्वानांनी आपल्या प्रमाण वर्गीकरण केल्लें दिसून येता. इंग्लीश साहित्यांत निबंधाचे सामान्यतायेन Expository (विवेचनात्मक) Personal (आत्मकथनपर) अशे दोन वर्ग केल्यात. फाटल्या चारशीं वर्सांत इंग्लीश बरोवप्यांनी हातूंत खूब भर घातल्या. आयचे जाणकार चड करुन Personal Essay ललीत निबंध होच आयचो खरेलो निबंध Essay Proper म्हणून मनतात.[७०] लघुनिबंध हो ललीत गद्याचो एक उपप्रकार. १९२३-२७ ह्या कळांत वि. स. खांडेकर आनी ना. सी. फडके हांणी तो इंग्लीशिंतल्यान

मराठींत हाडलो.[७१] लघुनिबंधांतल्या चिंतन (थिंकिंग) आनी निबंधांतलो विचार (थॉट) हातूंतलो फरक लक्षांत घेवंया. चिंतन ही एखाद्या व्यक्तिमत्वाक येतल्या अनुभवांतली एक प्रक्रिया आसता. त्या व्यक्तिमत्वाच्या स्वभाव विशेशानुसार, राग-लोभानुसार विशिश्ट मनाचेर जातल्या एखाद्या घटनेच्या विशिश्ट प्रतिक्रियेनुसार ती उलट सुलट चलिल्ली आसता. तिच्यांत त्या व्यक्तिच्या भाव भावनादी तासांचो सहभाग आसता.[७२] आचार्य रामचन्द्र शुक्ल निबंध शैलीचे तीन प्रकार मानतात. निबंध वा गद्य विधा अशे प्रकार दिसून येतात. विचारात्मक, भावात्मक, वर्णनात्मक. तेच तरेन लेखन प्रसंगा प्रमाण ह्या निबंधांचो सुंदर मेळ करतात.[७३],[७४] डॉ. जयनाथ नलिनच्या विचारां प्रमाण निबंधाची आत्मा निजात्मक आनी परात्मक हातूंत आकार घेता. ह्या दोनूय प्रकारांत आनी पाच उप प्रकार केल्यात. परात्मक हातूंत १) वर्णनात्मक २) विवरणात्मक. तेच तरेन निजात्मक हातूंत ३) विचारात्मक ४) भावात्मक ५) आत्मापरक वा वैयक्तिक.[७५],[७६],[७७] डॉ. जयनाथ नलिन हाणें निबंधाचें अशें वर्गीकरण केल्लें दिसून येता.

१) निजात्मक (सबजैक्टिव) विचारात्मक (रिफलेक्टिव), भावात्मक (इमोशनल), आत्मपरक वा वैयक्तिक (पर्सनल)

२) परात्मक (ऑब्जैक्टिव) वर्णनात्मक (डिसक्रिप्टिव), विवरणात्मक (नैरेटिव)[७८] अशे तरेन जायत्या विद्वानांनी आपआपले प्रमाण निबंधाचे प्रकार केल्यात. ह्या प्रकारांच्या आदाराचेर निबंधाचे पोटप्रकार जाणून घेवंया.

## निबंधाचे पोटप्रकार

ह्या निबंधाच्या पोटप्रकारांचो मोटव्यांत अर्थ समजून घेवंया.

## साहित्यिक निबंध

साहित्याचे दोन अर्थ आसात. पयलो जो हिता खातीर आसता. दूसरो जंय शब्द आनी अर्थ एकाबरोबर आसतात. जंय रचनाकार आनी वाचपी एकठांय येत आसतात.[७९] साहित्यीक निबंधांत जण एका साहित्यकाराची आपली खाशेली दृश्टी आसता. ती दृश्टी साहित्यांत दिसपाक जाय.[८०] साहित्यीक

निबंधांतल्यान नवें साहित्य निर्मणी जावपाक साहित्यकार युवा पिडीची उरबा वाडयतात अशे तरेच्या निबंधांत फक्त साहित्यीक विचार आसतात.

## समाजीक निबंध

विद्यानिवास मिश्र प्रमाण समाज म्हणल्यार लोक. प्रत्यक्ष आसा तो समाज.[८१] असल्या निबंधांनी लेखक समाजांत चलतल्या ब-या वायट घडणूकांचेर उजवाड घालतात. तेच तरेन समाजाक जागरूत करपाचे विचार दिसतात. समाजीक निबंधांत समाजाच्या अडचणीक कशे तरेन हाताळल्यात तें साहित्यांत दिसपाक जाय. समाजाची, जी अव्यवस्था आसा, गरीबांचें कशे तरेन शोशण जाता तें सगळें नदरेक हाडटलें साहित्य.[८२] ह्या प्रकाराचें आसता.

## संस्कृतीक निबंध

डॉ हजारी प्रसाद द्विवेदी प्रमाण मनशांच्या श्रेष्ठ साधनांक संस्कृती मानतात. संस्कृती आनी साहित्याचें नातें सामकें लागीचें आसा.[८३] असल्या निबंधांनी खंयच्याय धर्माच्या रित रीवाजांचेर उजवाड घालतात. तो मागीर हिन्दू, मुस्लिम वा क्रिस्तांव जांव येता. तेच तरेन तांच्या सणां परबांचेर वा तांच्या विचारांचेरूय उजवाड घालतात.

## इतिहासीक निबंध

प्रो देशवाल प्रमाण[८४],[८५] इतिहास आमच्या मनातले दुबाव पयस करून ज्ञानाचीं दारां उगडटा. इतिहास वर्तमान आनी भूतकाळ हांचे मदीं निरन्तर चलता. इतिहासाच्या आधारान आमकां भूतकाळ आनी भूतकाळाच्या आधारान वर्तमान घडपी घडणूको समजपाक मदत मेळटा. आधुनीक साहित्यकार फक्त प्रचीन घटना वा राजा महराजांचेर म्हायती दितात ताकाच इतिहास मानताले. पूण आतां काळ बदल्ला. भूतकाळांतल्या खंयच्याय कार्याची म्हायती आतां इतिहास जाता. ती मागीर खंयचीय परिस्थिती, घटना, प्रक्रिया, प्रकृतीची व्याख्या, विवरण, आनी विवेचनाक इतिहास मानतात. जेन्ना इतिहास निबंधाचे रूप घेता तेन्ना, निबंधांत आंतरिक रूप दिश्टी पडटा. जर इतिहास मरतल्याची संख्या सांगता तेन्ना निबंध त्या काळाची परिस्थिती दाखयता.[८६]

## राजकी निबंध

जण एक निबंधकार आपल्या युगा प्रमाण प्रभावीत जाल्लो आसता. राज्यांत जे वयर सकयल चडाव जातात वा समाजीक राजकारण, साहित्यीक राजकारण, धर्मीक राजकारण, देश आनी अन्तर्राष्ट्रीय राजकारणाचेर ज्या निबंधांत उजवाड घातला अशे तरेचे राजकी निबंध आसतात.[८७]

## भाशेविशीं निबंध

अशे तरेच्या निबंधांत भाशाविशयक, भाशानिती आनी भाशेच्या अडचणेचे प्रस्न सोडोवपाचो यत्न करतात. हे तरेचे निबंध पुराय विचार प्रदान निबंध आसतात. हातूंतल्यान भाशेचें भूत, भविश्य आनी वर्तमानाचें चिंतन जाता. मागीर भाशेच्या वांट्याक आयिल्ल्या अडचणीचेर निर्णय काडूं येता.[८८]

## कथात्मक निबंध

ह्या तरेच्या निबंधांत कथा अंश आसातात. ह्या निबंधांनी कथात्मक कथन भरिल्लें आसाता.[८९] हे तरेचे निबंध वाचतना कथा चड आनी निबंध प्रकार कमी आशिल्ल्याचें जाणवता.

## धर्मीक निबंध

ज्या निबंधांत धर्म, संस्कृती, भक्ती, साकार, निराकार, अधर्म, सुधर्म हे तरेच्या विशयांचो प्रयोग जावपाक जाय. अशे तरेच्या निबंधांक धर्मीक निबंध म्हणूं येता.[९०]

## वर्णनात्मक निबंध

ह्या निबंधांनी वर्णनाक महत्व दितात. ज्या निबंधांत वस्तु, दृश्य, स्थान हांचें वर्णन आसता. चड करून सैमीक, न्हंय, दोंगर, झांडां, सण, रित रीवाज, वेश-भूशा, वातावरण, सभा संम्मेलन, तीर्थस्थानां, जात्रा, नाटकां आनी तियात्र. डॉ रामचन्द्र तिवारी प्रमाण, वर्णनात्मक निबंधांत दोन रूपां आसतात. १. यथा तथ्य वर्णन. २. कल्पना प्रधान.[९१]

वर्णनात्मक निबंधांत बुद्धितत्व, अनुभूति आनी कल्पनातत्व जिवंत रूप व्यक्त  करतात. हातूंत खंयच्याय स्थानाचें चित्रण करतात. निबंधांत वर्णनाक प्रधान स्थान आनी महत्वपूर्ण आसता. तातूंतल्यान लेखकाचें व्यक्तित्व प्रकट जाता. लेखकाचें वर्णन अशे तरेचें आसपाक जाय जातूंतल्यान वाचप्याकडेन स्थापन जावपाक जाय आनी ताका आनंद मेळपाक जाय. वर्णनात्मक निबंधांची विशेशताय कल्पना तत्वाचेर आदारून आसता. लेखकाची कल्पना इतली प्रभावी आसपाक जाय.

## सैमीक निबंध

सैमीक निबंधांत प्रकृती चित्रण मेळटा.[९२] ह्या तरेच्या निबंधात सैमाच्या संबंधांत बरे वायट परिणाम दाखोवपाचो यत्न करतात.

## विवरणात्मक

अशे तरेच्या निबंधांत खंयच्याय घटनांचें विवरण करतात. ज्या निबंधांत कथा येता वा घटनांक प्रधान्य दितात त्या निबंधांक विवरणात्मक निबंध म्हणूं येता. ह्या तरेच्या निबंधांत कल्पना आनी भावना तत्वाक प्राधान्य दितात. विवरणात्मक निबंध कथात्मक, घटनाप्रधान आनी खंयच्याय मनशाच्या जिणेकडेन संबंध दाखोवपी आसता.[९३]

## संस्मरणात्मक निबंध

जर जिणेच्या प्रवासांत खंयचीय घटना पळयल्या वा खंयच्याय व्यक्तिक मेळ्ळा जाल्यार तोच निबंधाचो विशय जावन पडटा.[९४] लेखकान जर आपल्या जिणेंत खंयच्याय गजालीचो अणभव घेतला, खंयचीय फाटली गजाल याद येता आसत वा खंयच्याय स्थानार गेल्लो आसत ताचे मागीर संस्मरणात्मक निबंध पळोवपाक मेळटात.

## विचारात्मक

विचारात्मक निबंधांत बुद्धिक प्राधान्य आसता. समाज आनी साहित्याचेर लेखक मोलादीक विचार आपल्या निबंधांनी हाडटात. हातूंत निबंधकाराच्या वैचारीक व्यक्तित्वाची अभिव्यक्ती जाता. जेन्ना लेखकाच्या फुडयांत

कसलीय अडचण निर्माण जाता तेन्ना तो ताचेर चिंतन करपाक लागता आनी हे खातीर तो जागृत जाता. लेखक अशे तरेच्या निबंधांतल्यान समाजांत दिशा आनी प्रकाश दिवूंक शकता. ह्या तरेच्या निबंधांत भावनांक आनी कल्पनांक तितलें स्थान ना.[९५] अशे तरेच्या निबंधांत कमीत कमी शब्दांत विचार आनी विशय हाताळटात. तेच तरेन आध्यात्मिक, दार्शनिक, साहित्यिक, समाजीक, मनोवैज्ञानीक आनी हेर अडचणींचेर निबंध विशय हाताळटात.[९६]

## भावनीक निबंध

भावात्मक निबंधाचो संबंध सरळ हृदयाकडेन आसता. ह्या तरेच्या निबंधांनी लेखकाच्या लेखनांत भावना जाणवतात.[९७] ह्या तरेच्या निबंधांत दोन खाशेलपणां आसात. १) कांय निबंधांनी भावुकता आसून लेगीत तातूंत विचार आसतात. २) तर कांय निबंधांनी फक्त भावनाच प्रधान आसात. निबंधकाराक यश मेळटा जेन्ना तो वाचप्याक भावदर्शेंत पावोवंक शकता तेन्ना लेखक हृदयाची भावना 'स्व' 'पर' कडेन आसता. डॉ जयनाथ नलिन प्रमाण [९८,९९] भाव आनी भाशा हांच्या माध्यमांतल्यान भावनीक शितळसायेन फूलतल्यो तेन्नाच भावात्मक निबंधाचो उदेव जातलो. असल्या निबंधा कडेन वाचक वाचनांतल्यान लेखकाकडेन एकरूप जावूंक शकतात. ह्या निबंधांत अर्थीक सुख-दुख, आनंद, विलास, ममता, आनी आक्रोश स्पश्ट दिसता.[१००] जेन्ना लेखक भावुक जाता आनी ताच्या मनांतल्यान जी भावना उफाळून येता हे तरेच्या बरपाक भावनीक म्हणू येता.[१०१]

## आत्मपरक

ह्या तरेच्या निबंधाक व्यक्ति-व्यंजक, वयक्तिक आनी ललीत निबंध म्हणूं येता. ह्या तरेच्या निबंधाक लेखकाक 'स्व' क स्वच्छन्द रूपांत प्रस्तूत करपाचें स्वातंत्र्य आसता. पाश्चात्य विद्वान डब्लू. एच. हडसन प्रमाण निबंध वास्तवांत व्यक्तिव्यंजक आसता. तातूंतल्यान निबंधकाराचें व्यक्तित्व प्रकाशित जाता. पूण व्यक्तिव्यंजक निबंधाक ललीत निबंध मानप योग्य जायना.[१०२] व्यक्ति-व्यंजक निबंधाक निबंधाचें खाशेलपण म्हणल्यार हे तरेचे निबंध साहित्याच्या हेर गद्य प्रकारां फूडें चड आत्मीय आसतात.[१०३]

## कले बद्दल निबंध

डॉ वर्मा प्रमाण कला मानव संस्कृतीची उपजण आसा. सैमाकडेन झूजून मनशांन जे संस्कार प्राप्त केल्यात आनी तातूंतल्यान सौन्दर्यबोध प्राप्त केला. तातूंत कला शब्दाचो अन्तर्भाव आसा. परिस्थितिक आकार दिवन मनशाच्या मानव संस्कृतीक जल्म दिला आनी त्याच विश्वासाच्या रस्त्यार चल्ला.[१०४]

## समीक्षात्मक निबंध

समीक्षेचो अर्थ जाता समालोचन. साहित्याच्या क्षेत्रांत खंयचीय वस्तू, कृती, व्याख्या, गूण - दोश, विश्लेषण आनी मूल्यांकन करप समीक्षेंत जाता.[१०५]

## आलोचनात्मक निबंध

ह्या तरेच्या निबंधांत दोन रूपां आसतात. १) सैद्धांतिक आनी २) व्यवहारिक[१०६] डॉ रघुवंश प्रमाण - साहित्याचें मूल्य सर्जनात्मक रूपांत स्वीकृत आसता.[१०७] डॉ सुरेश सिन्हा प्रमाण ह्या तरेच्या निबंधांत खंयच्याय कविची वा लेखकाची आलोचना करतात. डॉ शंकरदेव अवतरे - आलोचनात्मक निबंध साहित्य विशयनिश्ठ आसता. तांच्यो तीन धारणा आसतात. साहित्यीक इतिहास, साहित्यशास्त्र आनी साहित्य प्रयोग.[१०८]

## संवादात्मक निबंध

दोन संवादांतल्यान निबंध जांवं येतात. पूण तातूंत आपली वैचारिकता आसता.[१०९] हातूंत चडशे संवाद पळोवपाक मेळटात.

## व्यंगात्मक निबंध

राजकारण, भ्रश्टाचार, अनाचार, अन्याय, दुबळेंपण, समाजीक विकृती, अर्थीक वर्ग भेद, श्रीमंत आनी गरीबां मदलो भेद दाखोवपाक, धर्मीक दुबळेपण, अंधविश्वास हें सगळें उक्ताडार हाडपाक व्यंगात्मक निबंधांचो बरो उपयोग जाता.[११०] देखून अशे तरेचे निबंध समाजाचे दोळे उगडटात.

## पौराणिक निबंध

ज्या निबंधांत पौराणिक विशय हाताळटात हे तरेच्या निबंधांक पौराणिक निबंध म्हणूं येता.[१११]

## शास्त्रीय समीक्षापरक निबंध

शास्त्रीय नदरेंतल्यान ज्या निबंधांत विचार जाता तांकां शास्त्रीय निबंध म्हणूं येता.[११२]

## मनोवैज्ञानीक निबंध

हे तरेचो निबंध प्रकार आसा ज्या निबंधांत मनोविज्ञान नदरेक येता तांकां मनोविज्ञानीक निबंध म्हणू येता.[११३]

## ज्योतिष संबंधीत निबंध [११४]

ज्या निबंधांनी ज्योतिष संबंधीत विचार आनी लेखन जाता हे तरेच्या निबंधांक ज्योतिष संबंधीत निबंध म्हणू येता.

## दर्शन संबंधीत निबंध[११५]

दर्शन म्हणल्यार Philosophy[११६] ज्या निबंधांत दर्शन नदरेक येता तांकां दर्शन संबंधीत निबंध म्हणू येता.

## गवेषणात्मक निबंध[११७]

गवेषण म्हणल्यार संशोधन ज्या निबंधांत संशोधन नदरेक येता तांकां गवेषणात्मक संबंधीत निबंध म्हणू येता.

## २.३ निबंधाचीं त्तवां

निबंधाचीं तत्वां अशीं आसात.

## व्यक्तित्वाची अभिव्यंजना

निबंधांत लेखकाच्या व्यक्तित्वाक प्रधानता आसता, तीच ताची शक्ती जाता.[११८] हांवूच म्हज्या निबंधांचो विशय आसां, कित्याक तर म्हाका चड वळखतलो मनीस हांवूच आसां. साहित्याच्या रुपांत व्यक्तीचे अंश चड - कमी प्रमाणांत दिसतात. पूण निबंधांत ताची अन्विति चडांत चड आसतात. व्यक्तित्वाचे दोन पक्ष आसतात. एक प्रकृत आनी दूसरो अर्जित. अर्थात् अध्ययन, चिन्तन, मननांतल्यान प्राप्त करप. मनीस केन्नाच प्रकृत अवस्थेंत रावना, सदांच ताणे अपले आपणाक सारके केलां. अध्ययन, मनन, चिन्तनांतल्यान आपलें एक खाशेलें व्यक्तित्व निर्माण जाता. निबंध दोनूय प्रकाराच्या व्यक्तित्वाचे मेळून मिसळून रूप आसता. बाबू गुलाबराय प्रमाण निबंधांत व्यक्तित्व लिपूंक शकना. लेखक जें बरयता तें आपल्या स्वताच्या रुपांत, मतांत अथवा आपल्या निजी दृष्टिकोणांतल्यान पळयता. ताचे फाटल्यान ताच्या स्वताच्या अणभवाची प्रेरणा दिसता.[११९]

## वैयक्तिकता

खंयच्याय मनशाची व्यक्तीगत विशेशता वयक्तिकता म्हणूं येता. मनशाच्या वक्तीत्वाची छाप साहित्याच्या प्रत्येक विधेचें खाशेलपण आसता. डॉ हंसकुमार तिवारी प्रमाण ज्या स्वताच्या प्रेरणेतल्यान निबंधाचो जन्म जाता. समाजीक पृश्टभूमिचेर पावतकच वैयक्तीक धारणा, मान्यता विचार, विश्वास, वयक्तिक उरनात, ते समाजीक संपत्ती जावन व्यक्तीत्वाचें विशिश्ट रूप निर्माण करतात. हे स्वताची आत्मप्रशंसा न्ही पूण आपल्या भाव, चिन्तन आनी अणभवांचेर आधारीत ताचें जीवन दर्शन आसता.[१२०] हाचेवयल्यान अशें समजू येता की ललीत्य निबंधांत खंयच्याय वस्तू, परिस्थिती, घटनाचेर निबंधकाराची वैयक्तीक अणभवांचें लेखन आसता. हे पासत लेखक आपल्या नीज अनुभूतिंच्या विशयाच्या संदर्भात देश काल वांगडा संस्कृतीक जोडून ताका सुंदर स्वरूप प्रदान करता.[१२१]

## बौद्धिकता

अशे तरेतच्या तत्वांत लेखकाच्या निबंधांत बौद्धिकतेचे विचार पळोवपाक मेळटात.[१२२] रवीन्द्र केळेकाराच्या साहित्यांत जीं चिन्तना आसात तीं चडशीं बौद्धिक स्वरूपाचीं आशिल्याचीं जाणवतात. तांच्या ओंथांबे ह्या

निबंधांतलें सुंदर अवतरण "ईश्वराची उपासना ही खरेपणानशीं ईश्वर जोडपाची उपासना न्हय. आपणाक ओंपपाची, आपणाक दिवन उडोवपाची उपासना, जिवीत जियेता आसताना भक्ती, क्षमा, दया, संतोस, सेवा, हांच्या आधारान ईश्वरा सुवादीन जावपाची ही एक साधना. देखून ईश्वर अजून आमकां कित्याक मेळूंक ना हाचो हुसको जावंक जायना. आमी आमकां अजून ईश्वराक कित्याक ओंपूंक पावूंक नात हाचोच हुस्को काडूंक जाय."[१२३] अशे तरेची बौद्धिक देख ओथांबे संग्रहांत पळोवपाक मेळटा.

## वैचारिकता

निबंधांत स्वच्छन्दता वयक्तिकते खातीर येता. निबंधाक स्वच्छन्दतेच्या सिमेंत दवरपाचें काम वैचारीकता करता. देखून हे खातीर वैचारीकता निबंधाचें आवश्यक तत्व मानलां. साहित्याच्या क्षेत्रांत निबंध केन्नाच मनोरंजनाचें साधन जावूंक ना. तर वैचारिकता जागृत करपाक महत्वपूर्ण आसा. वैचारिक निबंध फक्त वाचप्याक ज्ञान-जिज्ञासा दिनात तर तांच्यांत तिव्रता आनी सहजताय निर्माण करतात. देखून निबंध अशे तरेच्या साहित्याक म्हणूं येता जें विचारांक उत्तेजन दिता.[१२४]

## स्वच्छन्दता

निबंधाच्या मदीं कथा प्रसंग वा घटनांचो समावेश आसता असल्या निबंधांचो स्वच्छन्दता स्वरूपांत आस्पाव जाता.[१२५] साहित्याची सगळ्यांत चड स्वच्छन्द निबंध विधा आसा. स्वच्छन्दतायेचो चडशे जाण स्विकार करतात. निबंधाचो प्राण वयक्तिकता आसता, आनी वयक्तिकते खातीर निबंधांत स्वच्छन्दता येता.[१२६] हाचेर डॉ हजारी प्रसाद द्विवेदींचे विचार जाणून घेवंया.[१२७],[१२८] कांय निबंधांक आमी व्यक्तिगत निबंध म्हणटात हाचो अर्थ तातूंत विचारधारा नासता अशें न्हय पूण तो उतरांचो एक महासागर. संवसारांत आमी जीं दृश्यां पळयतात ताचे वेगळेपण आमकां ह्या निबंधांनी प्रकट जाल्लें दिसता.

## काल्पनिकता

आपल्या शब्दांच्या माध्यमांतल्यान वा सृजनात्मकतायेंतल्यान निबंधाक आकार दिवप.[१२९] कल्पनेविशीं वर्डस्वर्थाचे विचार जाणून घेवंया. "To throw over then a certain coluring of imagination,

where ordinary things should be present to the mind in an unusual way." [१३०] कॉलरिज प्रमाण[१३१] प्राथमीक कल्पनेच्या आदाराचेर सैम रचतल्यान सृश्टि निर्माण केल्या हीच मनशांक मेळटा जी मनशाच्या मनांत मानसीक विश्व निर्माण करता.[१३२] कल्पना अशी मानसीक शक्ती आसा, जी अप्रत्यक्ष मस्तिश्कांत प्रत्यक्ष जाता. मेक्डुगल प्रमाण[१३३] कल्पना अप्रत्यक्ष वस्तुच्या संबंधान चिन्तन मनन आसा. साहित्याच्या सृजनांत कल्पनेक विशेश योगदान आसा.

### संक्षिप्तता

डॉ मु. ब. शहा प्रमाण संक्षिप्त आतां अनिवार्य तत्व ना. लोक पयलीं ल्हान ल्हान निबंध बरयताले, हाकाच लागून संक्षिप्तातायेक एक आवश्यक तत्व मानलां.[१३४] फूडें ते म्हणटात शायद[१३५] संक्षिप्तता ही संदाच निबंधाची कसवणी आसूंये  कित्याक तर निबंध मूळ विशया वेल्यान पयसावनासतना विसृततायेन मूळ निबंधाच्या गाब्याकडल्यानूय पयस वचूंक फावना [१३६] संक्षीप्त निबंध सदांच आपल्या मूळ विशयाक धरून आसातात. तशें केलें ना जाल्यार तो मागीर प्रबंध जांवं येता. निबंधांत सीमा तितलीच आसपाक जाय आनी तातूंतच ताचें रूप प्रस्तूत जावपाक जाय.[१३७] एकसूत्रता लेखक केन्ना केन्ना एक विशय घेवन, एक सूत्र धरून खंयचे खंय विशयाची खोलाय दाखयता त्या निबंधाक एकसूत्र म्हणूं येता.[१३८]

### कलात्मकता

ललीत निबंधाचें हें सगळ्यांत म्हत्वपूर्ण तत्व आसा. कलात्मकतायेचो अभिप्राय कलापूर्ण गद्य शैलींतल्यन जाता. भाशा अभिव्यक्तीचें माध्यम आसता, तातूंतल्यन शैलीनिर्माण जाता, हे खातीर भाशेच्या अंतर्गत शैलीचो समावेश जाता. व्यक्तित्वाच्या विभिन्नतेंतल्यान शैलींत विभिन्नता येता. शेवटाक शैलीक व्यक्तित्वाची वळख दिवपी म्हणूं येता[१३९] खंयचाय रचनेक कलात्मकतायेचो गुण आवश्यक आसता. नाजाल्यार ती नीरस, अनुपयोगी आनी बिनउपयोगी जाता.[१४०]

## २.४ निबंधाचो इतिहास आनी गोंयच्या कोंकणी निबंधाचो प्रवास

इंग्लीशेंत 'एसे' चो जनक बेकन हाका मानतात. पूण बेकन हांणी मॉंतेन ह्या फ्रेंच साहित्यीकाच्या 'एसे'[१४१] हाचे वेल्यान हो प्रकार इंग्लीश साहित्यांत हाडला. मॉंतेनान आपलीं 'एसे' चीं  पयलीं दोन पुस्तकां १५८०

वर्सा  फ्रेंच भाशेंत उजवाडाक हाडलीं. माँतेन मेल्या उपरांत पांच वर्सांनी बेकन हांणी १५९५ वर्सा पयलें पुस्तक प्रसिद्ध केलें.[१४२] इंग्लीशेंत एसेचीं दोन रुपां अठराव्या आनी एकोणिसाव्या शतकांत प्रचलीत आसलीं. स्टील ॲडिसन 'पीरिऑडिकल एसेज' चार्लस् लॅमने हांणी 'पर्सनल एसे' प्रकार सुरू केलो.[१४३] माँतेन प्रमाण म्हज्या एसेंतल्यान हांव म्हाकाच रेखाटतां. तेच तरेन एखाद्या विशयाचेर तयारी करी नासताना ऐनवेळार जें दिसलें, भावलें, जाणून घेतलें तेंच बरयलें. माँतेनान मनाक म्हत्व दिवंक ना. तेच खातीर फ्रेंचांतल्यान इंग्लीशेंत येतना एसे वेगळें रुप धारण करता. पूण बेकन एसेचें मूळ स्वरूप बदलता. बेकनाच्यो इंग्लीश एसे प्रकृतीन गंभीर, विचारनिश्ठ, तर्कसंगत तेच तरेन वयक्तिक अनुभव व्यक्त करच्या बदला अनुभवाचो वैचारीक परिपाक ते मांडटात.[१४४] फ्रेंच भाशेंत (Essai) हें ताचें तद्‌भव रूप आसा. ताचो अर्थ यत्न  करप असो जाता. फ्रांसीसी 'एसे' लैटिनाच्या एक्जीउम च्यान व्युत्पन्न जाला. एक्जीउम चो अर्थ जाता मापप, वजन वा मूल्यांकन करप. फ्रांसीसी विद्वान मिशेल द मोंतेन (१५३३-१५९२)[१४५] तांच्या प्रमाण[१४६] निबंधाक विचारांचें, उद्धरणाचें आनी कथांचें मिश्रण मानला.[१४७] निबंधांत जाय तें खरें सरळ सांगूंक येता. निबंधांत आशय आनी व्यक्तिमत्व सयत लेखक प्रकट जाता. निबंधाचो जनक फ्रान्सांतलो मिशेल द मोंताव्य (Michel de Montaige) म्हणटालो[१४८] हांव म्हजें म्हाकाच चितारतां. "जें हांवें बरयलां तें म्हजें. म्हज्यांतलें जें ब-यांतलें बरें आसा, तेंच हांवें उतरांच्या कुरवांनी तुमच्या मुखार दवरलां" निबंधांत खरें महत्व आसता आत्मनिवेदनाक. ह्या आत्मनिवेदनाक कसलें तरी निमीत्य जाय. ह्या निमीत्याक ललीत निबंधाचो विशय म्हणूं येता. निमीत्य कसलेंय आसलें तरी बरोवप्याक आपल्या अणभवाची कूस उकती करूंक येता. ललीत निबंधाक विशय कुस्कुटाचो विशय चलता. पूण आत्मानुभावाक चड म्हत्व आसता. खब-यांक नेट येता. तशेच निबंध आसतात. आपणाले अणभव लेखक पातळावन सांगता. बरोवपी बरयत वता आनी निबंधाक एक रुप आकार मेळटा. कांय वेळार परिणाम सादपा खातीर निबंधान व्हड आंवाठ घेतलो जाल्यारुय तो निबंध. अणभवाचें अर्क मगीर तें कांय वळींनीं लेगीत मांडल्यार उपकारता. एका अणभवांतल्यान दुस-या अणभवांक फागूर फुट्टात. तांकां नवी आंकरी येता. मागीर तो अणभव नव्यान फुलून येता. तातूंतल्यान एक मनभुलयणें चित्र साकार जाता. प्रामाणिकपणाचेर निबंध आदारुन आसता. ब-या निबंधांत लेखकाच्या व्यक्तित्व अभिव्यक्ती चो प्रभाव पडटा.[१४९] मिशेल द मोंतेनाक लैटिन भाशेचें ज्ञान आसलें. हे खातीर घडये आसत लैटिनाच्या एक्जीउमचें मापप, वजन करप वा मूल्यांकन करपाच्या मूळ भावांतल्यान तांणी ऐसेंतल्यान व्यक्त केला आसत अशें

हांगा दिसता. सुमार सोळाव्या शेकड्यांत 'एसे' शब्दाचो प्रयोग मेळटा. मिशेल द मोंतेन हांचो तिसरो निबंध संग्रह प्रकाशीत केल्या उपरांत णव वर्सां उपरांत इंग्लीश भाशेंत सगळ्यांत पयलीं फ्रांसिस बेकन (१५६१-१६२६) हांणी धा निबंधांचो निबंध संग्रह प्रकाशित केलो.[१५०] इंग्लीश निबंध साहित्याच्या इतिहासाक विशेश महत्व आसा. ह्या काळांत जायते साहित्यकार निबंध बरोवपाक लागले. जोसेफ एडिसन, जोसेफ हॉल, जॉन अर्ल, आनी काउले हांचे निबंध सगळ्यांत लोकप्रिय जाल्ले दिसून येतात. फूडें अठराव्या शेंकड्यांत पत्र पत्रिकारीतेंतल्यान इंग्लीश निबंध प्रकाशित जावन ताका बरो वाव मेळपाक लागलो.[१५१] १९ व्या शेंकड्याचो काळ इंग्लीश भाशेंत निबंध साहित्याचो प्रौढ़ काळ म्हणटात. ह्या काळांत चार्ल्स डिकेन्स (१८९२ - १८७०), टॉमस हेनरी हक्सले (१८२५ - १८९५), थॉमस कार्लायल (१७९५ - १८८१), मैथ्यू आर्नल्ड (१८२२ - १८८८), रस्किन, हर्बर्ट, इमसनि, रॉबर्ट स्टिवेंसन (१८५० - १८९५) हांणी निबंध रचले.[१५२] हिन्दी निबंधाच्या संवसारांत "भारतेंदु" न निबंध रचपाक सुरवात केली. तांणी समाजांतल्या चडशा आंगांचेर निबंध रचल्यात. तांच्या फाटल्यान बालकृष्ण भट्ट हांकां निबंधाचो जल्मदातो म्हणटात. तांच्या उपरांत प्रताप नारायण मिश्र, महावीर प्रसाद द्विवेदी, चंद्रधर शर्मा गुलेरी, आचार्य रामचंद्र शुक्ल, महामहोपाध्याय रामवतार शर्मा, गुलाब राय, सियाराम शरण गुप्त, माखन लाल चतुर्वेदी, अंबिका प्रसाद वाजपेयी, शिवपूजन सहाय, पांडेय बेचन शर्मा, सद्‌गुरुशरण अवस्थी, पदुमलाल पुन्नालाल बख्शी, लक्ष्मीकांत झा हांच्या नावांचो उल्लेख दिसून येता.[१५३] थोड्या भितर पाच्छात्य आनी भारतीय हिंदी निबंधाचो इतिहास पळयल्या उपरांत गोंयच्या संदर्भांत निबंधाचो प्रवास पळोवया. कोंकणी भाशेक आनी कोंकणी लिपीक जायतीं आडमेळीं आयलीं. तरी लेगीत कोंकणी देवनागरी भास उदरगतीक पाविल्ल्याचें नदरेक येता. ह्या कोंकणी देवनागरी निबंध इतिहासाचेर आनी निबंध प्रवासाचेर उजवाड घालूंया.

## गोंयच्या कोंकणी निबंधाचो प्रवास

पुर्तुगेजां पयलीं कसलें साहित्य आसलें आनी कितें आसलें? पुर्तुगेजांनी कितें लासुन उडयलें आनी कितें व्हेलें? हें कोण खरेपणान नकळो. पूण पुर्तुगेजांचो गोंयचेर शेक आशिल्ल्यान कोंकणी साहित्याची चळवळ फुलूंक पावली ना. हाकाच लागून निबंधाची चळवळ सामकी उसरां सुरु जाली. कोंकणी वेगवेगळी परंपरा आसा देखीक रोमी, देवनागरी, कन्नड, आदि. अशो जायत्यो लिपयो आशिल्ल्यान साहित्याचे बरपी आनी वाचपी पयसावले. एकामेकांच्या सामके अनवळखी जाले. परिशदेच्या निमतान सगळे कोंकणी मोगी

एकटांय येवंक लागले तेन्नाच्यान कोंकणी अस्मितायेची चळवळ सुरू आसा. कोंकणीत एक अजाप म्हणल्यार नवे बरोवपी देवनागरी लिपयेंतल्यान बरोवपाक लागले. मागीर पुर्तुगेजांनी अंदिल्लो स्वास सुटून कोंकणी भाशेची उदरगत जवपाक लागली ती "कोंकणीचें मूळ पीठ गोंयात". कोंकणीक साहित्य अकादमीन मान्यताय दिली. कोंकणीक गोंय सरकारान राज्यभास मानयताय दिली. मागीर शाळा, कॉलेजां, विद्यापिठांनी कोंकणी विशय शिकोवंक लागले. कोंकणीच्यो कार्यावळी जावपाक लागल्यो. ह्या सगळ्या घडणुकांचो कोंकणी साहित्याचेर सुमारा भायर प्रभाव पडलो. निबंधाचेर लेगीत प्रभाव पडलो आनी कोंकणी साहित्यांत निबंधांत उदरगत जायत रावली.[१५४] देवनागरी कोंकणीक आपलीं मुळां घट करता म्हणल्यार गोंयांत जायतो वेळ लागलो. पूण एक गजाल खरी म्हणल्यार गोंयचे जायते लोक रोमी लिपयेंत कोंकणी बरयताले. हे खातीर रोमी लिपयेंत निबंध नदरेक येतात. ते पासत रोमी लिपयेंत निबंध खंयचे आसा ताचेर पयलीं उजवाड घालतां. देखीक  इंदियेच्यो जाती, काजार आनी देवाची इश्टागत, बरी देख, गर्व आनी ल्हानविकाय, घोव बायलांचो कायदो, गोंयचें शेतकामतपण, दुडवांचो सांबाळ, आमचीं कर्तुबां, भांगराची चावी, बलायकी आनी पिडा बी तरेकतरा निबंध रोमी लिपयेंत उजवाडाक आयल्यात.[१५५] कोंकणी निबंध जॅरनल मासीक आनी आकाशवाणीच्या टेपिनी शिंपडिल्ले आसात. सगळ्या कोंकणी साहित्य प्रकारां परस निबंधाक एकटांवंक आनी प्रकाशनांत चड त्रास भोगल्यात.[१५६]

## शणै गोंयबाबाचे आदींचो निबंध

शणै गोंयबान कोंकणी देवनागरी निबंधाची बुन्याद घातली. शणै गोंयबाब म्हणल्यार वामन रघुनाथ शणै वर्दे वालावलीकार. १८७७-१९४६ ताणी कोंकणी साहित्याची उदरगत केली. ताणी गंभीर साहित्याचेय प्रकार हाताळ्ळे. तांणी ललीत साहित्य निबंध रचलें म्हणल्यार 'Lyric in prose' ताका गद्य-काव्य म्हणटात. गोंयबाबान वेंचीक उतरांनी गद्य बरयलें. फोरसान येवपी अणभवांच्या उमाळ्याचें ल्हार. तांच्या निबंधांतलें विश्व रोकडें नदरेक पडटा. तांणी निबंध साहित्यांक जिवें -तट्टटीत रुप दिलां. तांच्या निबंधांत घरावी आनी थळावी भास वाचूंक मेळटा. गोंयचो सैम, गोंयकारांचीं सभाव-चित्रां, तांगेल्या निबंधांनी अजरंवर जाल्यांत. पूण अशे तरेचे हाता-बोटांर मेजूंक येत इतलेच निबंध तांणी बरयले. पूण ते पुस्तक रुपान उजवाडाक येवंक नात. घडये तांच्या गद्याक आपसूक हें ललित निबंधाचें रुप मेळ्ळां जावंये. साहित्याचो

एक प्रकार म्हूण मुजरत तांणी निबंध बरयल्लो दिसना. तांच्या ललीत निबंधाचो पुरावो म्हण, मयेंच्या तळ्यार, हो मोटवो आनी गोमटो निबंध संग्रहांत आसपावला.[१५७]

कोंकणी गद्याची सुरवात १९ व्या शतमानाच्या निमाण्या दसकांत जाली. सुरवातेक रोमी आनी कानडी लिपयांनी गद्याची सुरवात कोंकणी नेमाळ्यांनी जाली.[१५८] तशें पळोवपाक गेल्यार गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड १९३३, वोंवळां हो संग्रह १९३५ वर्सा उजवाडाक आयलो. गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड वासशणैली पोपाय आनी बाबुमामालो पणस हांकां आमी कथा म्हण पाचारतात. ह्या दोनूय बरपांत निबंधाचीं तत्वां आशिल्ल्याचें जाणवता. वोंवळां हातूंत लेगीत निबंधाची बुनयाद पडल्या. तातूंत लेगीत स निबंधांचो आसपाव आसा. ते अशे आसात आगो गंगा, देवण्णालें सोवळें, बावाजीचो भंय, प्रीत, कान्नडी शाळेमास्तर आनी मंदाकीनी. म्हणल्यार देवनागरींत सुमार १९३३ वर्सा शणै गोंयबाबा कडच्यान निबंधाची सुरवात जाली म्हणपाक हरकत ना. प्रकाश पर्येकार हांकां निबंधकार म्हण विचारलें तेन्ना तांच्या मता प्रमाण गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड, वासशणैली पोपाय आनी बाबुमामालो पणस, वोंवळा ह्या बरपांत निबंधाचीं तत्वां आसात तांकां मागीर आमी कथनात्मक निबंध म्हणू येता. रोमींतल्यान उजवाडाक येवपी "उदेन्तीचें साळक" १८८९ "दर म्हयन्याची रोटी" १९१५ "वावराड्यांचो इश्ट" १९३०, कानडी लिपयेंत उजवाडाक येवपी "दिरवें" १९१२, "राखणो" १९३८, "मित्र" १९५३, "झेलो" १९५५, "पोयणारी" १९५०, "काणीक" १९५८, "पंचकादय", "आमची माया", "कोंकण दायज", "मायगांव", हांतलें चडशें साहित्य अर्दशिक्षीतां खातीर खबरी आनी मनोरंजना खातीर आसलें. तातूंत वेगवेळ्या विशयांचेर बरप आसपावता. देखीक- धर्म विचार, नितीचो उपदेस, देखदिण्यो काणयो, थळां प्रसंगाचीं वर्णनां, गुडां फालां, वेपार आदि. तातूंतल्यान साहित्याचो पांवडो थारावंक जायना. तरी पूण कोंकणी निबंधाचें मूळ तातुंतूच मेळटा. [१५९]

हो काळ मेरेन निबंधाक फकत जाणकारी दिवपी, देख सांगपी, प्रचारात्मक आनी गंभीर चिंतनाक निबंध म्हण वळखताले. ह्या बरपान आत्मप्रकटण, सृजनात्मकता आनी कलात्मकता खूब उणी. पुस्तक रुपानूय तें उजवाडाक येवंकना. ह्या लिखाणाचो नियाळ खूब कमी जाला.[१६०]

## १९४० ते १९६० मेरेनचो निबंध

शणै गोंयबाबान ललीत निबंधाची बुनयाद घाली, पूण ख-या अर्थान निबंध केळयलो तो मात ताचे फाटले पिळगेन. सुरवेक हे निबंध, गोंया भायल्यान उजवाडाक येवपी कोंकणी नेमाळीं, आनी मुंबय आकाशवाणीच्यो कोंकणी कार्यावळी, हातूंत पळोवंक मेळटात. नवें गोंय, प्रजेचो आवाज, मीर्ग, साळीक, साद, विद्या, बी नेमाळ्यांनी बरेच निबंध आयल्यात. तांतले तातूंत प्रजेचो आवाज आनी मीर्ग हांतलें बरप चड गंभीर तरेचें, जाल्यार हेरा नेमाळ्यांनी ललीत बरपाक चड वाव दिला. शणै गोंयबाबांच्या काळांत ललित साहित्य समर्थपणान हाताळप्यां मजगतीं आचार्य रामचंद्र शंकर नायक, निकुबाब धुमे, निळकंठ साळकारे, दिनकर देसाय, बा. भ. बोरकार, लक्ष्मणराव सरदेसाय, रवीन्द्र केळेकार हांचो आसपाव जाता. तांणी व्हडा, घोस्तान, निबंध केळयल्यात. आपल्या अणभवाचो काळ आपणाल्या बरपांतल्यान उबो केला. त्या कळांत बरपी वाचपी साप कमी आसले. त्या काळांत, जाफरभाय, रामचंद्र शंकर नायक आपल्या फिशालपणान मनभुलयणे लिखाणेक आकार दिताले. निबंधाची सुरवात आनी अखेर सट्ट करून चित्त ओडून घेता. निबंध सोंपयतना लेखक निबंध कसो सुचता तें आपुणच सांगता.[१६१] पूण कोंकणी निबंधाची सुरवात केन्ना सावन जाली हाचो विचार करतना शणै गोंयबाबांच्या निबंधा पयलीं रचल्यात अशें लक्षांत येता. कित्याक तर पळोवपाक गेल्यार गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड १९३३, वोंवळां हो संग्रह १९३५ उजवाडाक आयिल्लो - सागरदीप प्रकाशन संपादक आनी उजवाडपी दीपक गांवकार. हातूंत जे कथनात्मक निबंध आसात, त्या निबंधांतली मोडी कारवारी अशें दिसून येता. हें पुस्तक कर्नाटकांतल्या कारवार आनी गोंयांत वाचपाक मेळटालें. हो संग्रह चड करून कर्नाटकांत प्रचलीत जाल्लो पळोवपाक मेळटा. ह्या संग्रहांत जे निबंध बरोवपी आसात तातूंत कोण गोंयांत रावपी अशे दिसनात. निबंधकारांची वळख, तांच्या घराण्यांचो थोडोभोव इतिहास वोंवळां निबंध संग्रहांत दिला. वोंवळां संग्रहांत उजवाडाक आयिल्ल्या लेखकांचीं नांवां अशीं आसात. नंद तेलंग, अंबू कुलकर्णि, नरहरी, दिनकर देसाय, जयवंत कुलकर्णि, दिगंबर नाडकर्णि, लिलाग्रज, इन्दू वागळे, श्रीपाद, शांताराम भेंडें, विश्वंभर वाघ, सुशिला स्थळेकर आनी श्रीपाद वागळे.[१६२]

गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड- वासशणैली पोपाय आनी बाबुमामालो पणस हांकां आमी कथा म्हण पाचारतात. ह्या दोनूय बरपांत निबंधाचीं तत्वां आशिल्ल्याचें जाणवता. ते पासत तांकां कथनात्मक निबंध म्हणूं येता. वोंवळां हातूंत लेगीत निबंधाची बुनयाद पडल्या. त्या बरपांनी लेगीत निबंधाचीं तत्वां आसात तेचतरेन तातूंतलें जें बरप आसा तें देवनागरी लिपयेंतलें आसा. हो संग्रह कर्नाटकांत उजवाडाक आयल्यार लेगीत

हातूंतल्यान कोंकणी देवनागरी निबंधाची बुन्याद पडल्या. देवनागरींत १९३३ वर्सा शणै गोंयबाबा कडच्यान निबंध लेखन जावपाक लागलें अशें निबंधाचो सोद घेतना नदरेक येता. तेच तरेन नारायण लाड हांचो "साळकां" हो निबंध संग्रहाचो संदर्भ मेळटा. पूण तो केन्ना उजवाडाक आयलो हाची योग्य तारीक मेळना.[१६३] डॉ सु. म. तडकोडकर, डॉ रवीन्द्रनाथ मिश्र, फूडें म्हणल्या प्रमाण, "आवय" हो निबंध संग्रह उजवाडाक आयिल्ल्याचो उल्लेख मेळटा. पूण हें पुस्तक केन्ना उजवाडाक आयलें, कोणे उजवाडाक हाडलें हाची योग्य म्हयती मेळना.[१६४] एकोणिसाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेज जाणकार कुंञ रिव्हार हांणी कोंकणी साहित्याचेर निबंध बरयलो आनी कोंकणी उलोवप्यांनी आपली भास केळोवपाची, फुलोवपाची म्हण कळवळ्यान सांगलें.[१६५] प्रा श्याम वेरेंकर प्रमाण –रामचंद्र नारायण नायक हे शैलीदार लेखक. तांचे निबंध पुस्पहास, कृष्णाय, वासुदेवाय आनी विशाळतायेचीं दुखां. तांच्या निबंधांचें भायलें रुप पारखुंचे परस आंतरीक रुप निरखुंचे.[१६६]

विष्णुबाबा नायक हांणी १९६०, स्वाती,[१६७] हो पयलो देवनागरी निबंध संपादीत केलो. ह्या संग्रहांत सात बरोवप्यांचे तेरा निबंध आसात. जण एकल्यान आशय विशया प्रमाण आपआपल्या निबंधांक एक वेगळें रुप दिलां. पूण शणै गोंयबाब हांच्या गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड हें पुस्तक १९३३ वर्सा उजवाडाक आयिल्लें. ह्या पुस्तकांत वासशणैली पोपाय आनी बाबुमामालो पणस हे कथनात्मक निबंध आसात. उपनिषदांतले तंत्रीक भाशेंतलें आरण्यक हें नांव शणै गोंयबाबन दर एके काणयेक दिलां.[१६८] तेच तरेन वोवळां ह्या संग्रहाक काणयांचो संग्रह मानतात त्या संग्रहांत काणयो आसात. पूण १९३५ वर्सा निबंधान आपलें रूप ह्या संग्रहाच्या रूपांत घट केलें. संदेश श्रीकांत बांदेकार प्रमाण " हें पुस्तक ललीत निबंधांचें लेगीत म्हणूं येता."[१६९] निळकंठ साळकार- हांचे निबंध, स्वाती, ह्या निबंध संग्रहांत आसपावल्यात. तांच्या बरपांत येवपी गोंयची संस्कृताय वाक्प्रचार जूस्त दोळ्यां मुखार येतात. त्या उपरांत गोंय मुक्ती मेरेन उजवाडाक आयिल्ल्या निबंदांनी घडये इंग्लीश, पुर्तुगेज, हिंदी, मराठी बी निबंधांतल्यान स्फूर्त घेतल्या. ह्या बरपांतल्यान कोंकणीची शक्त दिसून येता.[१७०]

## १९६० साला उपरांतचो निबंध

जायत्या जाणांनी निबंध बरयल्यात पूण कांय जाणांनीच ताका बरो न्याय दिला. ललीत निबंध केळोवप्यां मजगतीं लक्ष्मणराव सरदेसाय, बाकीबाब बोरकार, रवीन्द्र केळेकार, दत्ताराम सुखठणकार, लुसियो रोड्रिग्स, वि. ज. उजगांवकार, अ. ना. म्हांबरो, चंद्रकांत केणी, रामकृष्ण जुवारकार, शंकर भांडारी, प्रकाश थळी आनी मीना काकोडकार ह्या लेखकांनी आपणाली खाशेली प्रतीमा वापरुन ललीत निबंध निर्माण केल्यात. ललीत निबंध निर्माण करपाची कुशलताय तांकां बरी समजल्या. ललीत निबंध साहित्य प्रकाराची इतिहसीक आनी समाजीक गरज लेखकांनी भागयल्या. दत्ताराम सुखठणकार आनी वि. ज. उजगांवकार हांणी फक्त ललीत निबंध प्रकारच केळयला. हेर लेखकांनी बाकीचे साहित्य प्रकार हाताळल्यात पूण तांचो पिंड निबंधकाराचो.[१७१] मान्नी पूनव १९७० दत्ताराम सुखठणकार ह्या निबंधांत तांणी विनोद करून वायट चाली रितींचेर बडी मारल्या.[१७२] प्रा श्याम वेरेंकर प्रमाण - बाकीबाब बोरकार आनी लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी मराठी साहित्यांत निबंध बरयले. बकिबाब बोरकार हांचे गोल्ड फ्लेक, काळोख, मखमली ठिगळें, हे १९४० चे फामाद निबंध. तांचो, कागदी होड्या, हो मराठी निबंध संग्रह तांचे लिखणेची गवाय दिता. तांचे कोंकणी निबंध म्हजो गांव बोरी, कासवाचें कट्टें, फुलां, गांठी, भांगराची करंदाय, हे तांचे निबंध नेमाळ्यांनी उजवाडाक आयल्यात. ते पुंजावन निबंध संग्रह करुं येता.[१७३]

लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी कोंकणींत ललीत निबंध समर्थपणान हाताळ्ळो. तांच्या खबरी कांय वर्माच्यो, कांय कर्माच्यो, १९८० ह्या निबंध संग्रहाक साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला. ह्या निबंध संग्रहांत सोळा निबंध आसात. निबंधांत व्यक्तिचित्रणां, मावळती संस्कृताय, कामधंद्याचेर आदारीत जातींचे प्रतिनिधी - देखीक मास्तर, रेंदेर, शेट, भगत आनी देमांदिस्त आनी कांय रसीक व्यक्तिमत्वां. तांचे निबंध जशे थळांतल्यो खबरी आनी पुण्यभूंय गोंय. लक्ष्मणरावांक बरोवपाची प्रेरणा भितरल्यान मेळटा. ते म्हणटात, त्या प्रमाण "म्हजे भितरुच म्हाका पळोवंक लागलों. तेन्ना म्हाका जें दिसलें तेंच हांव सांगतां." म्हज्यांतच म्हाका पळयतां, तेन्ना म्हाका भोंवतणचो संवसार, जगपा खातीर केल्ले उपद्व्याप, जगचें म्हणून काडिल्ल्यो काडाओडी नदरेमुखार उब्यो रावतात.[१७४] बाकीबाब बोरकार निबंध बरयतना कवितेवरी एका सांच्यांत बसयता. तातूंत सोपी रचना, चिंतनाक जीवसाण, सैमाची सोबिताय, लोक-जिणेंतलें सत्य, शिव, ही रुच ते वाचप्याक आपल्या निबंधांतल्यान दितात.[१७५]

लक्ष्मणराव सरदेसाय आपल्या निबंधांतल्यान समाजांतलें मनीसपण तोखेता. तांची बरोवपाची तरा सादी सुटसुटीत. ते निबंधाची रचना बरी करतात. तांच्या विचारांत, थ्रिल, टच, निर्माण करतात. कोंकणी सरस्पतींत ललीत निबंध नवें बीं पेरपी बाकीबाब बोरकार आनी लक्ष्मणराव सरदेसाय. [१७६]

लुसियो रोड्रिग्स हांचे रायबारी, पदेर, नागवणो कोंकणी ललीत निबंध आसात. दिसपट्टे जिणेंतले सादे विशय घेवन तातूंत ते जीव ओततात. सादी सरळ भास ते टवटवीत करतात. हे अशे लेखक जांच्या उमाळ्याची हुनसाण, विचारांची खोलाय आनी उतरांची सुंदरकाय हांचो मेळ सादवपी. तांकां उतरांचो मोग आसा, कलेची नदर आसा, सुखदुख कळपाचें काळीज आसा.[१७७] मनोहरराय सरदेसाय हांचे निबंध वाचतना एक वेगळोच अणभव वाचप्यांक मेळटा. तांच्या निबंधांत वाचतल्याक आपलें ल्हानपण मेळटा. तांचे निबंध "ल्हानपणांतल्यो यादी" हें तांचे आप उक्तावणेंचें बरप "खुल्लम खुल्ला", साहित्यमळार समाजाची घटसाण, हांव कवी कसो जालों, शणै गोंयबाब एक म्हान साहित्यीक हे तांचे निबंध.

दत्ताराम सुखठणकार हांणी कोंकणी निबंध बरयल्यात. ते विनोदी निबंध बरयतात. म्हण तांकां विनोदी आनी उपहासात्माक निबंधकार अशें म्हणटात. तांच्या मान्नी पुनव १९७७ ह्या पयल्याच निबंध संग्रहाक साहित्य अकादमी पुरस्कार १९७८ फावो जाला. तातूंत अशे तरेचे निबंध आसपावल्यात- माशेल, गोंयचो देमांद, आलमपेड्ड्यार आनी होंवळो, न्हिदपी, म्हालो, मडवळ, हांवें हें पयलीं सांगिल्लें, आळशी आनी शिमरी, भटाचे भेटेक आनी घर चाराक हे निबंधाचे माथाळे वाचून निबंधांचें पुराय रुप दोळ्यां मुखार उबें जाता.[१७८] रवीन्द्र केळेकाराचो पिंड निबंधकाराचो. कोंकणी साहित्यांत तांणी निबंध खरो केळयलो. तांच्या निबंधांचें खाशेलेंपण म्हणल्यार तांचे निबंधांतलो सामको सुटसुटीपणा आनी सोपे सरळपणा. कोणीय वाचतकच ताचो अर्थ रोकडोच कळून येता अशी तांच्या निबंधांची रचना आसता. प्रवासवर्णना, चिंतना, आप उक्तावणेचीं बरपां आनी दिसपटी हे निबंध प्रकार तांणी हाताळिल्ले जाणवतात. तांचे उजवाडाक आयिल्ले निबंध संग्रह अशे आसात वेळेवयल्यो घुलो (१९७१), हिमालयांत (प्रवासवर्णन), उजवाडाचे सूर (१९७३), सांगाती (१९७७), ओथांबे (१९९९), घुसपल्लें जानवें (२०००), आमोरेर (२००३) अघळ पघळ (२००५), आशीकुशीक (२००७) आदी. तांच्या निबंधांनी सदांच कितें तरी नवें आसता. वाचतल्याक सदांच तांचें बरप वाचपाक उरबा दिता. हें हांव म्हज्या अणभवावयल्यान सांगतां. तांचे निबंध सदांच तत्वाक धरून आसतात. वगीच एक विशय घेतलो आनी तो बरोपाक जाय अशे तरेचें बरप केन्नाच दिसना. तांच्या निबधांत विचारांचें मंथन जाता, आनी तातूंतल्यान नवे विचार वाचप्याक मेळटात. खंयचोय

विचार तांच्या मनांत येता तसोच तो विचार ते पुस्तकांत बरयल्ल्याचें जाणवता. तांच्या बरपांत यथार्थवाद आशिल्ल्याचें समजता. आनी होच यथार्थवाद समाजाक सुधारीत दिका दाखोवन दिता. सादो लेगीत विशय ते सामके वैचारीक पद्धतीन कुशळतायेन वाचप्याच्या मनांत रूजयतात. तांचे निबंध वाचल्यार अशें जाणवता तें म्हणल्यार ते साहित्याचे खरे तपस्वी आसात. तेच तरेन निबंधांत लेखकाचे विचार वेव्हारकुशळ आशिल्याचें वाचतकच कळटा. अशे तरेचे विचार समाजाक फायदेशीर पडटात. चिंतनात्मक निबंध बरोवपी हे खातीर कोंकणींत तांकां पयलो मान. प्रा श्याम वेरेंकर प्रमाण  रवीन्द्र केळेकार हांचे निबंध म्हणल्यार "अणभवांचे वालीक आयिल्लीं चिंतनांचीं फुलां."[१७९] साळकां १९८३ हो नारायण वा. लाड हांचो २० पाकळ्यांचो निबंध संग्रह. मनोहरराय सरदेसाय हांची सुंदर प्रस्तावना हाका लाभल्या. तांचे निबंध धर्मीक आसात. पारंपारीक विचारांत पोसवण दिवपी. शंकर भांडारी हांचो पावला कणकणी हो निबंध संग्रह उजवाडाक आयला. तांच्या जिवितांतले कांय घडिल्ले प्रसंग आनी एका कलाकाराच्या दृश्टिकोनाची वळख ह्या संग्रहांतल्यान जाता. तांचे कांय निबंध पावलां आनी पांयतणां, फॅशनाचे जुलूम, हातच्या कांकणाक हारसो नाका, बंदिस्त देव, बंडलां, सुशिक्षीत न्हवरो पावणेर, हांव आंकवार कित्याक उल्लों?, आमचीं लग्नां काय विघ्नां, भेड्डो घोव आनी ताजी मोनी बायल, युगे अठ्ठाविस फेरिबोटीर उबो, शोफेर .....बी. तांच्या विचारांक नेट येता, पूण खंय तरी एक दोश जाणवता. बरपांतल्या ललीताकय वेर येता. तांचो निबंध फुलता, म्हणटा म्हणसर फुस्स करून वारें सुटिल्ले वरी बावता.[१८०] विश्वंभर ज. उसगांवकार हांणी निबंध बरयल्यात. तांचे कांय निबंध उपासाचीं "अर्थावणां", "आंगोस्तरां", "भेटोभंवारो", "कपयो आनी फकयो बी". हे निबंध गोंयचे अस्मितायेचेर उजवाड घालतात.

चंद्रकांत केणी पत्रकार. पूण तांचो पिंड ललीत साहित्यकाराचो. एक बरो निबंध बरोवपी म्हूण तांची नामना जाल्या. तांचे चडांत चड ललीत निबंध नेमाळ्यांनी आनी दिसाळ्यांनी आयल्यात. तांचो एक निबंध संग्रह 'बिंम्बां पडबिंम्बां' उजवाडाक आयला. सुनपरान्तांत "ल्हारा ल्हारा" आनी हेर नेमान येवपी बरपांतल्यान तांच्या निबंधाचो आविश्कार जाता. गोंयकार, गोंयचो सैम, गोंयचे वेगळे अस्मितायेचो तांकां भारी अभिमान. तांच्या लिखाणांल्यान प्रकट जावपी व्यक्तित्व एक भावार्थी जाणकारचीं मनीसपणां, पवित्रताय आनी न्यायनितीची किरंगुळी धरपी. तांच्या लिखाणांतलो सभाव धर्मीक आनी संवेदनशील. "नैनिताल --

जंय एक याद गोठेली" हो एक तांचो ललीत निबंध. प्रवासवर्णन कशें आसचें हाची ही सोबीत देख आसा.[१८१]

अ. ना. म्हांबरो  हांचो "गोंयची अस्मिताय" १९७८ हो निबंध संग्रह बरोच गाजलो. तांचे निबंध म्हणल्यार झांकप. तांचें बरप चडशें विनोदी, मार्मीक आनी न्हिदिल्ल्याक चिमटे काडून, कुटल्यो, खातकुल्यो करून जागोवपी अशें. हांसयत हांसयत वाचप्यांक कांय शाणेपणाच्यो गजाली सांगपी तांचे निबंध. गोंयकारांचें अस्तित्व तांणी "गोंयची अस्मिताय" ह्या पुस्तकांत बरे तरेन चितारलां. गोंयचें मनीसपण, समाज, देव-देवस्पण, भार-प्रसाद, धर्म-जाती, जात्रा-उत्सव, लग्नां आनी स्त्राद्धां, राजकारण, गोंयचो कोंकणी-मराठी वाद..... गोंयची संस्कृताय दाखोवपी तांच्या बरपांत दिसता.[१८२]

रामकृष्ण जुवारकार हांच्यो "आमच्यो खबरो" १९८१-८२ तीन वांट्यांनी उजवाडा आयल्यात "ह्यो खबरो मनांत येवजिल्ल्यो मतींत किर्ते आयल्यो आनी मतींत आयिल्ल्यो सांगल्यो" अशे तरेन बरयल्यात. तांतलो "हांव" खूब अणभव घेता. ताचे भोंवतणच्या घराब्याचें, मनशांच्या सभावाचें, चित्रण करतना तांचें व्यक्तित्व फुलून येता. आमच्या गांवांतल्यो खबरो, गुन्यांवकार, सुखी परिवार, मिराचो संवसार, म्हजो बुकलो, म्हजो वेवसाय, धर्माचें पिशें, मडको, साधु, रस्त्यावेलें केस्तांव बी बरपां निबंधांत आसपावतात.

दामोदर मावजो हांचो "दोळयांसुखां दोळयांदुखां" हो आपउक्तावपी निबंध. ललीत लेखनाची बुनयाद "स्वानुभवाचे " तांकीर उरता, हाचो पडताळो तांचो हो निबंध वाचतकच जाता. तांच्या बरपांतल्यान मागीर ताचो सभाव, ताची शैली, ताचे संस्कार आपसूक उक्ते जाल्ल्याचें नदरेक आयले बगर रावना.[१८३] मीना काकोडकारांक वाचप्यांच्या काळजांत सप्तसुरांचें संगीत जागोवपी कळाशी बरी सादल्या. "जोगूल" ह्या टोपण नांवान तांणी बरयल्लें "मेकळें मळब" हें ललीत गद्य. तातूंतलो एक निबंध संपा. श्याम वेरेंकार, हांच्या कोंकणी ललीत निबंधात आसपावला.[१८४]
प्रकाश थळी हांणी निबंधकार म्हण नामना मेळयल्या. तांचे निबंध कोंकणी निबंधाक एक वेगळीच दिशा दितात. तांचे निबंध अशे आसात "वासांनी जीव पिसो", "तानगो", "खतखतें", "फोगोट्यो", "जायरात",

"सुताची पुनव", "आसले आमी", "वृक्षवल्ली आम्हां सोयरे", "आतां तुज्या गोंयां कितें उरल्ला", "गोंयचे टेंपो आनी प्रवाशी"अशे निबंध रचल्यात.[१८५]

तुकाराम शेट हांणी बरेच ललीत निबंध बरयल्यात. "आयब", "पेप्सीकार" "न्हंयतलो शिपो" हें निबंध बरे गाजल्यात. "न्हंयतलो शिपो" हातूंत कलात्मक अणभवांक नकसूद उतरांनी मांडल्यात.[१८६] तुकाराम शेट हांच्या "मनमोतयां" ह्या निबंध संग्रहांतल्या "न्हंयतलो शिपो" ह्या निबंधातलें सुंदर अवतरण, "गांवच्या कुशिकच्यान मांडवी न्हय थिरावल्ल्यावरी संथ व्हांवता. तिच्या कांठार पावतकूच म्हजें मन खिणभर थिरावता आनी मागीर तिचे व्हांवते संथ लयींत एकरूप जातां. पावस झडून गेल्ल्यावरी सगळी अस्वस्थताय खंयचेकडे नाच्च जाता. तकलेंतले पेंच देंवतात. जिवाक सामकी थाकाय मेळटा. न्हंयच्या शितळ आनी संथ प्रवाहांत मेळून गेल्ल्यावरी ही थाकाय आसता."[१८७] सुनापारान्त ह्या दिसाळ्यांत नेमान येवपी "पाजण" हें ललीत वाचप्याचें मन जिखता. तांचो "काळजाक गरी लावन" हो निबंध अप्रतीम जाला. गांवगि-या वाठाराची ओड आनी यादी तांच्या ललित निबंधांतल्यान गोमटें रूप घेवन सरसरून वयर येतात.

लीना हेदे हांचो "गुलमोहर" हो निबंध रखरखीत वतान चंवरून आयिल्ल्या गुलमोहराचें गुपीत ह्या निबंधांत वाचपाक मेळटा. तांचो निबंध म्हणल्यार सैमाच्या चैतन्याक साद घालपी.[१८८] ह्या ह्या निबंधातलें सुंदर अवतरण, "उटंगार पावसा उपरान्त गुलमोहराच्या पांयातळा पडिल्ल्या पांकळ्यांचीं तांबडी गुंज रास पळोवन म्हाका ती एक युद्धभूंय शी दिसता. युद्धभूंययेचेर जाल्लो रक्तखेव आनी ताचें तें जितें जागतें रक्तताळ चित्र. म्हजें मन कलिंग युद्धाची याद उसपिता. त्या पराक्रमी सम्राटाचो गर्भगळीत पुरुषार्थ ह्या प्रचंड रुखांतल्यान देंवता. झडिल्ले पाकळे कणकणीं ते युद्धभुंयेर विरश्री मेळिल्ल्याची शिरंगणां कशीं दिसूंक लागतात." इंग्लिशींत जाका Polite Literature (bells letters) "सभ्य निबंध" म्हूण वळखतात, त्या पांवड्याचे हे निबंध. जिणेंत आनी साहित्यांत उजू चलणूक दवरपी वाचप्यांक असले निबंध चड मानवतात.[१८९] कोंकणी नेमाळ्यांनी आनी दिसाळ्यांनी जायते बरोवपी ललीत गद्य हाताळूंक लागल्यात. देखीक दत्ता दा. नायक, चित्रा कुडचडकार, नंदकुमार कामत, दिलीप बोरकार, दिपा मुरकुंडे, नरेंद्र

कामत, दिपा लाड, मुकेश थळी, सुमेधा कामत आदी. फूडें निबंध संग्रह उजवाडाक आयिल्ले प्रमाण ताचेर उजवाड घालूंया. हातूंतल्यान कोंकणी निबंधाचो पांवडो स्पश्ट जातलो.

रामकृष्ण जुवारकार - व्हडलें म्हजें गोंय १९९२, दिनेश विनायक भरणे - लिखणेचे उत्फरके १९९३, श्रीधर शंकर फडके - दोंगरावेलीं मनशां १९९४, जयमाला दणायत - करबट, १९९४, डॉ. उमानाथ राताबोली - पारजत परमळ १९९४, रवीन्द्र केळेकार - एका विचाराची जिवीत-कथा, कोंकणी अणकार - माधवी सरदेसाय, निबंध १९९३, मुकेश थळी, वळेसर, मार्च १९९५, रामकृष्ण जुवारकार - साहित्यसार तीन सोद निबंध - १९९५, दिनेश मणेरकार - वेंचिल्ले खीण १९९६, नरेंद्र कामत- पारजत फुलां १९९६, चित्रा कुडचडकार - मनाचो हारसो १९९६, पंढरीनाथ सुरसुरे - खातखुतल्यो १९९७, कमलाकर म्हाळशी - ऋतुचक्र, रामकृष्ण जुवारकार, अक्षता,१९९८, प्रकाश तळवणेकार - गोंय आनी गोंयकारपण २००१, दत्ता दामोदर नायक - जाय काय जूय?, २००२, चंद्रकांत केणी - गोंय आनी गोंयकार २००२, कमलादेवी राव देशपांडे - सैम २००२, रवीन्द्र केळेकार - आमोरेर २००३, सुधा सुरेश आमोणकार - आत्म्याचें संगीत २००३, दत्ता दामोदर नायक - अरेबियन डेज जुलैय २००४, रवीन्द्र केळेकार - अघळ पघळ २००५, रवीन्द्र केळेकार - तीन पावलां प्रज्ञावादाचीं २००५, प्रकाश प्रर्येकार - दवरणें २००५, रोमियो आल्मेदा - आमोरी अमुरपिकी २००५, सुधा सुरेश आमोणकार - आनंदतरंग २००५, रवीन्द्र केळेकार - भारतवर्षाची संस्कृतायेची साधना २००५, रामकृष्ण जुवारकार - मंत्राक्षता २००५, जयमाला दणायत - आंबाड्या भोवतणीं तीन शेंवतीं २००६, उदय गुडे - अमुरपिक्यो चिंचो २००६, पांडुरंग भांगी - उतरांचो संवसार २००६, महेश पारकार - निबंधमणी २००६, नयना आडारकार - पोवनां २००६, सुधा वसंत लवंदे - ओंवळां २००६, डॉ. श्रीधर शंकर फडके - निबंधमाळ २००६, रवीन्द्र केळेकार - आशिकुशीक २००७, ज्योति कुंकळकार - कर्तुत्वी कन्या, हेमा नायक - अस्तुरी मृग, सुरेश रामचन्द्र पै - विचार मंथन, रामकृष्ण जुआरकार - आमच्यो खबरो, अ. ना. म्हाबरो - कोंबो गेलो तारवार २००७, दिपा मुरकुंडे - भौरंगी जीण २००८, मुकेश थळी - हंसध्वनी २००८, जयंती नायक - लोकरंग, लोकमंथन २००८,

डॉ बाळकृष्णजी कानोळकार – क्ष समीक्षेंतलो २००८, अपर्णा गारूडी – गजाली २००९, किरण बुडकुले – अक्षरसरीता २००९, किरण बुडकुले – क्षतकांतिका २००९, (डिसेंबर २००९ मेरेन जे निबंध संग्रह उजवाडाक आयल्यात तांचो ह्या कोंकणी निबंधाच्या इतिहासांत आसपाव करुन घेतला).

तरेकवार बरपांत आनी सजावट आशिल्लो कोंकणी हाताळ्यांचो पयलो अंक १९५५ च्या १५ आगस्ट, स्वतंत्रताये दिसा उजवाडाक हाडलो. ह्या हाताळ्याचें नांव 'जोत' (ज्योत). ह्या अंकांत हेर साहित्य प्रकरां बरोबर निबंध आनी वैचारिक बरपां उजवाडाक आयल्यांत.[१९०] उदेन्तेचें साळिक, गोमंत भारती, गोंयचो आवाज, जैत, परशुराम, प्रजेचो आवाज, मीर्ग, त्रिवेणी, दर महिन्याची रोटी, दिवटी, लोकसाद, वावराड्याचो इश्ट, विद्या, सत, साद आनी साळिक[१९१] ह्या नेमाळ्यांनी निबंधाक मानाचो पाट दिला. तेच तरेन कोंकणी, नवें गोंय, पुनव, आंकूर, परमळ, जाग, कोंकणभारती, कोंकण टायम्स, वांगडी, कुळागर, गुलाब, दिसाळीं - राष्ट्रमत... मराठी दिसाळें खास कोंकणी सदर, सुनापरान्त आनी नवें गोंय.[१९२] नव्या युवांक चडांच चड निबंध बरोवपाक प्रोत्साहीत करतात.

## निबंध लेखन शैलीचे प्रकार

खंयचोय लेखक एकाच प्रकाराक धरून निबंध बरयता अशें केन्नाच आसना. साहित्य प्रकार बरोवन जातकच ताचो विशिश्ट प्रकार थारता. लेखक प्रकार थारायना. जें लेखकाक बरयन दिसता तें लेखक बरयतात, कित्याक जाल्यार जे विचार मनांत येतात ते एकाच प्रकाराचे केन्नाच आसनात. त्या विचारांक आकार आसना. तांचो आकार निबंध रचतकच थारता. आतां आमी कांय अशेच तरेचे प्रकार जाणून घेवंया.

### व्यक्तिचित्रणात्मक [१९३]

देवनागरी कोंकणी बरोवप्यांनी व्यक्तिचित्रणाचो प्रकार बरो हाताळला. ज्या निबंधांनी पुराय व्यक्तीचें चित्रण करतात त्या निबंधांक व्यक्तिचित्रणात्मक निबंध म्हणू येता. अशा तरेचे निबंध वाचतना ज्या तरेन लेखकान व्यक्ती चितारला तसोच तो वा ती व्याक्ती वाचतल्याच्या दोळ्यां मुखार उभी रावता इतले सुंदर व्यक्तिचित्रणात्मक निबंध कोंकणी साहित्यांत आसात. देखीक श्री. शं. फडकेचें "दोंगरा वेलीं मनशां" हो

निबंध संग्रह एक बरी व्यक्तिचित्रणात्मक देख म्हण घेवू येता. देखीक ह्या निबंधातले अवतरण पोळोवया. “हसन खान हो उक्तो मनीस. सदांच एक पिजामा घालून घरा भायर बसून कपडे शिंवीत आसता. ताका पळेयल्यार दिसतालें की हाजीं फक्त हाडां आनी कातच आंगार आसा. चरबी म्हणटा ती एक चिमटीभर लेगीत ताज्या आंगार दिसची ना. छातयेर धवे फुल्ल केंस, ताकाच मॅचींग, जावपी खाड आनी तकलेर केंस. मुसलमानी धवी तोपी घलतगीच तो ‘अब्दुल गफर खान’ कसो दिसता.’[१९४]

## थळ चित्रणां आनी उत्सव

हांगाचे सण - परबो, उमेदी, ऊत्सवी मनां...... हांगाचे ओडलायणे सोबीत वाठार...., जायत्या बरप्यांनी चिरंजीव केल्यात. तांतले कांय दाखले म्हणल्यार मंगेशींची पुनव, म्हजो गांव रायतूर, पिरवोळ म्हजो गांव, असो म्हजो गांव आदी.

## सैम चित्रणां

वाचप्याक आनंद दिवपी आनी विचार करूंक लावपी, संवेदनशील मनाक लागिल्लो सैमाचो ओडो. आयज पुनव ओत्ताली, श्रावणांतली सोबिताय, गुलमोहर, .... बी निबंधांनी नियाळूंक मेळटात. ह्या निबंधांनी लेखक चडांत चड सैमाचीं चित्रणां करतात.

## विनोदी बरपां

विनोदी बरप खूबश्या लेखकांनी हाताळलां. देखीक - देवण्णालें सवळें, हांव आंकवारूच कित्याक उरलों, म्हाल्याच्या शापांत, म्हज्या मिश्यांचो महिमा, नकळ काळाच्यो गती, बेब्यांनी गिळ्ळो हती, रात थोडीं सवंगां चड. हीं नावांच आयकतकच समजता की हें विनोदी बरप.[१९५] निबंध आनी लघुनिबंध - तसो हातूंत व्हडलो सो फरक ना. हीं एकाच विशयाचीं दोन नांवां. पूण निबंध आनी ललित निबंध हातूंत फरक ना. ललित निबंधांत ललित आसता, तातूंत एका परस कितलेय विशय येवं येतात. ताका विस्ताराची शिम नासता. पूण निबंध हो आटापशीर आनी विशयाचें निबंधन केल्लो आसता.[१९६]

## निबंध बरोवपाची तरा

निबंध बरोवपाक तितलो सोपो न्हय. निबंध बरोवपाची लेगीत एक तरा आसा.

### १) विशय निरूपण

खंयच्याय विशयाची नितळ आनी सरळ मांडणी आसप गरजेची. विशयाचें स्पश्टीकरण, दुबाव, पूर्व पक्ष, ऊत्तर पक्ष आनी अखेरेक निबंधांत हीं आंगां आसचीं.

### २) एकसूत्रताय

निबंधांत एकसूत्रीपणा आसप गरजेचें. निबंधांत वर्णन केल्ल्यो गजाली कितल्योय आसल्यार जातात. पूण तांचो संबंध एका सुत्रान मूळ विशयाकडेन संबंदीत आसूंक जाय. निबंधांतले पयले मुद्दे आनी निमाणे मुद्दे हातूंत जर एकसुत्रीपण नासत तर निबंधाक जिवंतपण नासता.

### ३) आत्मत्व

निबंध बरोवपी मनशाची आत्मियता आनी व्यक्तित्व दिसपी प्रसंगांचो आसपाव आशिल्ल्यानूच खंयचोय लेख निबंध ह्या प्रकारांत प्रवेश करता.

### ४) कलात्मकता

दर एक व्यक्तिचे अभिव्यक्तिंत जर कलात्मक मौलिकतेचो आसपाव नासता आनी भास विशयाप्रमाण सुंदर नासता तर त्या निबंधाची शैली इबाडटा. भाशेंतलीं उतरां मुदयेर थीक कशीं वापरूंक जाय. म्हणी - ओपारी, चित्रात्मकताय, सहज सरळ भास निबंधाची गोडसाण वाडयतात.[१९७] एकोणिसाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेज जाणकार कुंञ रिव्हार हांणी कोंकणी भाशेचेर निबंध बरयलो आनी कोंकणी उलोवप्यांनी आपली भास केळोवपाची, फुलोवपाची म्हण कळवळ्यान सांगलें.[१९८]

## निबंधाचो उद्देश

जण एका साहित्यीक कृती फाटल्यान तिचो उद्देश लिपिल्लो आसता. प्रत्येक निबंध आपलो उद्देश घेवनूच येता. समाजांतलें खंयचेंय आंग घेवन लेखक ताचेर उजवाड घालता. आपल्या बरपांतल्यान लेखक वाचप्यांच्या मनांचेर प्रभाव घालता. आनी आपल्या निबंधांतल्यान वाचप्याक जागृत करता. उद्देशा बगर केन्ना खंयचोय निबंध आसचो ना.[११९]

## निश्कर्श

'निबंध' हो मुळांत तत्सम शब्द. निबंध संस्कृतांत अतिप्राचीन शब्द आसा. संस्कृताचो मूळ धातू 'बंध' हातूंत 'नि' उपसर्ग (नि + बंध) लावन दोन प्रत्ययांच्या योगांतल्यान निबंध उतराची निर्मणी जाल्या. वाचस्पति प्रमाण नि + बंध + धञ् हातूंतल्यान बांधप, आडावप, आनी संग्रह करप. निबंध हो एक असो विशय जाचो विस्तार चड जांवं येता. लेखक आपल्या सृजनात्मक कल्पने प्रमाण निबंध बरयतात. निबंध ल्हान आसूं येता, व्हड आसूं येता, चिंतनांच्या रूपांत आसूं येता. धर्मीक निबंध, इतिहासीक निबंध, भोंवडे वर्णनात्मक निबंध, संस्मरणात्मक निबंध, भाशा विशयक निबंध, कला विशयक निबंध, समीक्षात्मक निबंध, भावात्मक निबंध, सांस्कृतीक निबंध आनी वर्णनात्मक निबंध अशे ताचे प्रकार आसात. डॉ. जॉनसन निबंध म्हणल्यार मस्तिश्काचो अनडाइजेस्टेड पीस अशें म्हणटात. एक काळ असो आशिल्लो लघुनिबंध हो साहित्याच्या प्रकारांत आसपाविल्लो आसलो. पूण कांय काळा उपरांत ताचो ललीत गद्य म्हणल्यार कथा, कादंबरी, नाटक आनी कविता हातूंत आसपाव जाल्लो दिसून येता. लघुनिबंध जल्माक येवन लेगीत तातूंत अशे कांय गूण दिसूंक लागले की ताचें परिवर्तन ललित निबंधांत जालें.

ललीत निबंध म्हणल्यार आत्मपर लिखाण. हांतूंतल्यान बरोवपी आपणाल्या मनांतल्यो प्रतिक्रिया उक्तायता. विशयाचें बंधन ना. ललित निबंधकाराच्या भाशेंत सहजता, सरलता, स्पश्टता, सशक्तता, लयात्मकता, प्रवाहमयता, चित्रात्मकता हे गूण आसपाक जाय. फ्रांसीसी विद्वान मिशल द मोंतेन हांचे मत्तान निबंधाक

विचारांचे, व्यक्त करपाचें आनी कथांचें मिश्रण मानलां." "निबंध" वा "प्रबंध" हीं उतरां भारतीय भासांनी घोळणुकेंत आसलीं. पूण भारतीय साहित्यांत निबंधाचो विकास फिरंगी साहित्य प्रेरणेंतल्यान जालो.

कोण निबंधाक व्यक्तिगत विश्लेशण म्हणटात, ताका कोण सिमीत आकारांत निर्मित आत्मीय विवेचन मानतात, तर कोण बुद्धितल्यान उत्पन्न जाल्ले अप्रांजल रचनेक निबंध मानतात. निबंधाच्या माध्यमांतल्यान लेखक आपले विचार सुसंगत पद्धतीन अभिव्यक्त करतात. पुर्तुगेजांचो गोंयाचेर शेक आशिल्ल्यान कोंकणी साहित्याची चळवळ फुलूंक पवली ना. हाकाच लागून निबंधाची चळवळ साप उसरां सुरु जाली. कोंकणी वेगळी परंपरा आसा देखीक - रोमी, देवनागरी, कन्नड, आदि. अशो जायत्यो लिपयो आशिल्ल्यान साहित्याचे बरपी आनी वाचपी वेगळे आसात. गोंयचे जायते लोक कोंकणी रोमी लिपयेंत बरयताले. कोंकणी निबंधाची सुरवात केन्ना सावन जाली. हाचो विचार करतना शणै गोंयबाबांच्या पयलीं निबंध रचल्यात अशें लक्षांत येता.

निबंधाचे तीन वर्ग आसात. कथात्मक (आख्यानात्मक - नैरेटिव), वर्णनात्मक (डिस्क्रिप्टिव), चिन्तनात्मक (रिफ्लेक्टिव). निबंधाचे पोट प्रकार साहित्यिक निबंध, संस्कृतीक निबंध, इतिहासीक निबंध, राजकी निबंध, भाशेविशीं निबंध, कथात्मक निबंध, धर्मीक निबंध, वर्णनात्मक निबंध, सैमीक निबंध, विवरणात्मक निबंध, संस्मरणात्मक निबंध, विचारात्मक निबंध, भावनीक निबंध, आत्मपरक निबंध, कलेविशीं निबंध, समीक्षात्मक निबंध, संवादात्मक निबंध, व्यंगात्मक निबंध, पौराणिक निबंध, शास्त्रीय समीक्षापरक निबंध, मनोवैज्ञानीक निबंध, ज्योतिष्य संबंधीत निबंध, दर्शन संबंधीत निबंध, गवेषणात्मक निबंध.

निबंधाक उदरगतीच्या तेंगशेर व्हरपाचें काम नेमाळ्यांनी आनी दिसाळ्यांनी केले. कोंकणी, नवें गोंय, पुनव, आंकूर, परमळ, जाग, कोंकण भारती, कोंकण टायम्स, वांगडी, कुळागर, गुलाब, दिसाळीं - राष्ट्रमत... मराठी दिसाळें खास कोंकणी सदर, सुनापरान्त आनी नवें गोंय.

निबंधाचीं तत्वां अशीं आसात. व्यक्तित्व ची अभिव्यंजना वयक्तिकता, बौद्धिकता, वैचारिकता, स्वच्छन्दता, काल्पनिकता, संक्षिप्त बरप. निबंध अशे तरेचो साहित्य प्रकार जंय लेखक आपले सगळे भाव उक्तादार हाडूंक शकतात. तातूंत मागीर सामाजांतले चडांत चड प्रस्न हाताळिल्ले दिसून येतात. देखीक समाजीक, राजकी, धर्मीक, अर्थीक आनी दर्शन. खंयच्याय साहित्य प्रकाराचें समाजाकडेन सामकें लागशिल्लें नातें

दिसून येता. समाजांत जें जें कितें घडटा तितल्या स्पश्ट रूपांत साहित्यांत दिश्टी पडटा. ललित निबंध ह्या शब्द प्रयोगांतलो निबंध ह्या शब्दाचो अर्थ घट्ट असो बंदिश अशें सुचयता. ललीत गद्यांत अशे तरेची बंदिश नासता. हे पासत ललित निबंध हो शब्द प्रयोग वापरप योग्य आसना. इंग्लीशींत जाका आमी Formless Form अशा शब्द प्रयोगांत वळखतात. ह्या प्रकारांतलें लेखन मुक्त प्रवृत्ती आशिल्लें, विस्तारशील स्वभावाचें आसता. देखून ताका आकारविहीनता प्राप्त जाल्ली आसता. निबंधांत लालित्य आसप ललीत निबंधाची प्रमुख विशेशताय आसा. जण एका साहित्यीक कृती फाटल्यान तिचो उद्देश लिपिल्लो आसता. प्रत्येक निबंध आपलो उद्देश घेवनूच येता.

# संदर्भ सूची आनी टिपो

[1] प्रदक्षिणा, अनिरूद्ध अनंत कुलकर्णी, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, पुणे, १९८०, पान ३८१.

[2] "Literature is composed of those books, and of those book only, which in first place, by reason of their subject matter and their mode of treating it, are of general. Human interest, and in which in the second place, the element of from and the plesure which from gives are to be regarded essential. "

[3] An Introduction to the Study of Literature, Hudson Henry William, Kalyani Publisher, New Delhi, 1995, Pg 10.

[4] डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, साहित्यिक निबंध, मीनाक्षी प्रकाशन, मेरठ, नयी दिल्ली, वर्स दिवूंक ना, पान २४५.

[5] तत्रैव, पान २४६.

[6] देशपांडे अच्युत नारायण, आधुनिक मराठी वाङ्मयाचा इतिहास, भाग दुसरा, व्हीनस प्रकाशन पुणे, १९७९, पान ४९३.

[7] वर्मा शामलाल कन्त, अभिनव निबंधावली, चौखंभा विद्याभुवन, वाराणसी, १९६४, पान १९.

[8] डॉ. देवरे शिवाजी, निबंधकार आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी, शैलजा प्रकाशन- कानपुर, २००३, पान ४७.

[9] वर्मा धीरेन्द्र, हिन्दी साहित्य कोश भाग १, ३ संस्करण, वाराणासी ज्ञानमण्डल लिमिटेड, १९८५, पान ३४४.

[10] डॉ. खण्डेलवाल जयकिशनप्रसाद, हिन्दी साहित्य की प्रवृत्तियाँ, विनोद पुस्तक मन्दिर, आगरा, नव्म संस्करण १९७४, पान ६२९.

[11] Virginia Woolf - The Principle which controls it is simply that it should give us pleasure; the desire which implies us when taken it from the shelf is simply to recive pleasure. Everything in an essay must be subdued to that end.

[12] Edit - Scholes, Comley R. Nancy, Klaus H. Carl, Silverman Michael, Elements of Literature, Sun Lithographing company calcutta, 1999, pg 4.

[13] यादव आनंद, ललित गद्याचे तात्वीक स्वरूप आणि मराठी लघुनिबंधाचा इतिहास, सुनील अनिल मेहता, पुणे, ऑक्टोबर, १९९५, पान ५५- ५८.

[14] डॉ. देशमुख दिलीप, विद्या निवास मिश्र का निबन्धालोक, विद्या प्रकाशन- कानपुर, २००६, पान ११.

[15] डॉ. देवरे शिवाजी, निबंधकार आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी, शैलजा प्रकाशन- कानपुर, २००३, पान ४७.

[16] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंधः सिध्दांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान १.

[17] तत्रैव, पान २.

[18] "प्राचीन संस्कृत साहित्य में निबंध नाम का एक अलग साहित्यांग है। इन निबंधों में धर्मशास्त्रीय सिद्धांत की विवेचना का ढंग यह है कि पहले पूर्व पक्ष में ऐसे बहुत से प्रमाण उपस्थित किए जाते हैं, जो लेखक के आभिश्ट सिद्धांत के प्रतिकूल पड़ते हैं। पूर्व पक्षवाली इन शंकाओं का एक एक करके उत्तर पक्ष में जवाब दिया जाता है। सभी शंकाओं का समाधान हो जाने के बाद उत्तर पक्ष के सिद्धांत की पुष्टि में कुछ और प्रमाणों का निबंध होता है, इसीलिए उन्हें निबंध कहते हैं।"

[19] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंधः सिद्धांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान २-३.

[20] भट्ट वी. वेंकटरमण, विद्यानिवास मिश्र के निबंध साहित्य का सांस्कृतिक अनुशीलन, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, १९९९, पान ७३.

[21] "निबंध उस गद्य रचना को कहते हैं, जिसमें एक सीमित आकार के भीतर किसी विषय का वर्णन या प्रतिपादन एक विशेष निजीपन, स्वच्छंदता, सौष्ठव और सजीवता तथा आवश्यक संगति और सम्बद्धता के साथ किया गया हो।"

[22] डॉ देशमुख दिलीप,  २००६, पान १३.

[23] "आधुनिक पाशचात्य लक्षणों के अनुसार निबंध उसी को कहना चाहिये जिसमें व्यक्तित्व अर्थात् व्यक्तिगत विशेषता हो।"

[24] संपादक डॉ. चौधरी जगन्नाथ, निबन्धकार विद्या निवास मिश्र, अतुल प्रकाशन- कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१, पान २६.

[25] संपा. डॉ फुल्ल सुशीलकुमार, साहित्यिक निबंध, भावना प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण- २००३, पान ३६२.

[26] "वह गद्य रचना जिसमें किसी विषय का श्रृंखलित विवेचन अथवा वैयक्तिक भाव या विचारधारा का क्रमबद्ध रोचक प्रकाशन प्रस्तुत किया जाता है, वह निबंध कहलाता है।"

[27] "निबंध गद्य काव्य की वह मर्यादित विधा है, जिसमें लेखक के स्वाधीन चिंतन और निष्छल अनुभूतियों की सरल, सजीव अभिव्यक्ति है। "

[28] "किसी विषय या उसके किसी अंग का अच्छा अध्ययन करके नये और मौलिक ढंग से उसका संक्षेप में स्वतंत्र रूप से विवेचन करते हुए जो गंभीर और अपेक्षतया कुछ विवरणात्मक लेख प्रस्तुत किया जात है, वही परिभाषिक क्षेत्र में निबंध कहलाता है।"

[29] डॉ देशमुख दिलीप, २००६, पान १३.

[30] "यदि गद्य कवियों की कसौटी है तो निबंध गद्य की कसौटी"

[31] त्रिगुणाय गोविन्द, शास्त्रीय समीक्षा के सिद्धान्त (द्वितीय भाग), एस. चन्द एण्ड कम्पनी, (प्रा) लि. रामनगर, नई दिल्ली, १९७४, पान ३१८.

[32] तत्रैव, पान ३१४.

[33] "An Essay is Composition of Moderate length on any particular subject or branch of a subject originaly implying want of finish, but now said of a Composition more or less elaborate in style, though limited in range"

[34] "The True essay is essentially personal. It belongs to the literature of self expression. Treaties and dissertation may be objective, the essay is subjective.''

[35] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १२.

[36] भारद्वाज बिदुषी, हिन्दी का ललित निबंध साहित्य और आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी, राधा पब्लिकेशन्स, नई - दिल्ली, १९९२, पान ७.

[37] 'इन्हीं वैयक्तिक निबन्धों को ही प्रकारान्तर से ललित निबन्ध माना जा सकता है।'
[38] भारद्वाज बिदुषी, हिन्दी का ललित निबंध साहित्य और आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी, राधा पब्लिकेशन्स, नई - दिल्ली, १९९२, पान ९.
[39] तत्रैव

[40] त्रिगुणाय गोविन्द, शास्त्रीय समीक्षा के सिद्धान्त (द्वितीय भाग), एस. चन्द एण्ड कम्पनी, (प्रा .) लि. रामनगर, नई दिल्ली, १९७४, पान ३१४.

[41] गर्डनर प्रमाण- Its is not so much that you have something you want to say as that you must say something. And after all What does the subject matter. Any peg will do to hang your hat on. That hat is the king.

[42] तत्रैव, पान ३१६.

[43] 'जरसाप्यास्मिन्नहार्यो रस.'
[44] संपा. डॉ. भारद्वाज शशि, भाषा, मार्च - अप्रैल २००८, केंद्रिय हिंदी निदेशालय उच्चतर शिक्षा विभाग, मानव संसाधन विकास मंत्रालय भारत सरकार, पान १२३.

[45] डॉ. लेले वामन केशव, ललितलेखन व शैली, (पाश्चात्य शैलीशास्त्राची मूलभूतत्वे), साहित्य प्रसार केन्द्र, सीताबर्डी, नागपूर १२, पयली आवृत्ती- १९८४, पान ४१.

[46] यादव आनंद, १९९५, पान ५५.

[47] तत्रैव, पान ५५- ५६.

[48] तत्रैव, पान ५६.

[49] तत्रैव पृ ५७.

[50] संपा. वेरेंकार श्याम, कोंकणी ललित निबंद, साहित्य अकादमी, १९९७, पान ७.

[51] डॉ विद्यानिवास मिश्र निबंधाक "व्यक्ति - व्यंजक" मानता

[52] डॉ गोरे बलभीमराज, हिन्दी भाषा, लिपि व साहित्य, विकास प्रकाशन, कानपुर, १९९७, पान १३७.

[53] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान २०८.

[54] जिणेंत दोन तरांचे रस आसतात. एक सुखदिणो, जाका आमी कोमेडी म्हणटात. दुसरो दुखदिणो, जाका आमी ट्रेजेडी म्हणटात.
[55] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, २००३ पान २०४.

[56] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, २००३, पान ३४५.

[57] भारद्वाज बिदुषी, १९९२, पान २१.
[58] तत्रैव, पान ९.

[59]ललित उतराचो अर्थ - सुन्दर वा प्रीतिविषयक.

[60] भारद्वाज बिदुषी, १९९२, पान १०.

[61] "ललित साहित्य में साहित्य की वे कोटियां आयेंगी, जिनमें बोधपक्ष उतना प्रधान नहीं, जितना भावपक्ष अर्थात् जिनमें बुद्धी की अपेक्षा हृदयको स्पर्श करने की सामर्थ्य अधिक है... गद्य और पद्य दोनों में ही ललित साहित्य की सृष्टी सम्भव है। शर्त है ललित अर्थात् सौन्दर्यनिष्ठ। ...ललित साहित्य में उस वृत्ती की प्रधानता रहती है, जिसे भरतमुनि ने नाट्य शास्त्र मे क्रीड़नीयक कहा है। विश्रांतिजनन अथवा विनोदकरण ललित साहित्य के अन्य हेतु कहे गये हैं। यह निश्चित है कि ललित साहित्य में कलात्मकता, सौन्दर्य तत्व, कल्पनाविलास, भावना- परिष्कार आदि का म्हत्व अधिक है।"

[62] भारद्वाज बिदुषी, १९९२, पान १०.

[63] डॉ. कैलाश चन्द्र भाटिया व्यक्तिव्यंजक निबंधाक ललीत निबंध मानतना तांच्या प्रमाण - वैयक्तिक भितर सगळ्यांत शेवटाचो प्रकार व्यक्तिव्यंजक निबंध आसा जाका ललितची संज्ञा दिल्या.

[64] भारद्वाज बिदुषी, १९९२, पान ११.
[65] डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, पान ५०.

[66] यादव आनंद, १९९५, पृ ९२.

[67] 'Writing (maketh) an exact man'

[68] वर्मा शामलाल कन्त, अभिनव निबंधावली, चौखंमभा विद्याभुवन, वाराणसी, १९६४, पान १५ – १६.

[69] वर्मा धीरेन्द्र, १९८५, पान ३४५.

[70] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान ९.

[71] यादव आनंद, १९९५, पृ १.

[72] यादव आनंद, १९९५, पृ ६३.
[73] गुलाब राय निबंधांचे चार प्रकार मानतात. वर्णनात्मक, विवरणात्मक, विचारात्मक आनी भावात्मक.
[74] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंधः सिद्धांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान २२.
[75] तत्रैव, पान २३.
[76] डॉ ओंकारनाथ शर्मा प्रमाण निबंधांत पांच प्रकार आसात. १) विचारात्मक, २)आलोचनात्मक, ३)भावात्मक, ४) वर्णनात्मक आनी ५) विवरणात्मक.

[77] डॉ द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंधः सिध्दांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान २३ – २४.

[78] भारद्वाज बिदुषी, १९९२, पान ८.

[79] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २७.

[80] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, निबन्धकार विद्या निवास मिश्र, अतुल प्रकाशन- कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१, पान ६०.
[81] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २७.

[82] संपा. डॉ. चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ६१ – ६२.

[83] तत्रैव, पान ६४.

[84] "इतिहास हमारा मोहावरण, दूर करके ज्ञान चक्षु, खोल देता है। यह वर्तमान और अतीत के मध्य निरन्तर चलने वाला संसार है। इससे वर्तमान के आधार पर अतीत को और अतीत के आधार पर वर्तमान को समझने में सहायता मिलती है।"

[85] संपा. डॉ. चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ८७.

[86] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ३३.

[87] संपादक डॉ जगन्नाथ चौधरी, १९९१, पान ६७.

[88]भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ३८ – ३९.

[89] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ९७.

[90] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ६९.

[91] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ४६.

[92] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान २२४.

[93] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १६.

[94] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ७५.
[95] डॉ देशमुख दिलीप, २००६, पान १६.

[96] डॉ गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान १४ – १५.

[97] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंध : सिद्धांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान २३.

[98] "भाव और भाषा दोनों की तरलता से स्निग्धता और सरलता की कलियाँ खिलेंगी तभी भावात्मक निबंन्धों का अनुरोध सुना जायेगा तभी पाठक उसमें लेखक और अपने आपको पा सकेंगे।"

[99] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १७.

[100] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ८९.

[101] वर्मा शामलाल कन्त, १९६४, पान १७.

[102] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १७.

[103] तत्रैव, पान १८.

[104] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, निबन्धकार विद्या निवास मिश्र, अतुल प्रकाशन - कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१, पान ७९.

[105] तत्रैव, पान ८२.

[106] डॉ. सिंह सुरेन्द्र, १९९६, पान ६५.

[107] तत्रैव, पान ८४.

[108] तत्रैव, पान १७.

[109] संपा डॉ. चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान १६५.

[110] शर्मा उषा, स्वातंत्र्योत्तर हिन्दी निबंध साहित्य में व्यंग, आत्माराम एण्ड संस, दिल्ली, प्रथम संस्करण १९८५, प्रस्तावना पान १.

[111] सिंह त्रिभुवन, साहित्यिक निबंध, वाराणसी हिन्दी प्रचारक मंडल, १९७३, पान ३२१.

[112] सिंह त्रिभुवन, साहित्यिक निबंध, वाराणसी हिन्दी प्रचारक मंडल, १९७३, पान ३२१.

[113] तत्रैव, पान ३२१.
[114] तत्रैव, पान ३२१.
[115] तत्रैव, पान ३२१.

[116] बोरकार सुरेश, थळी मुकेश, घाणेकार दामोदर, कोंकणी - इंग्लीश शब्द कोश, भिडे प्रभाकर, राजहंस वितरण, २००३ पान २५३

[117] सिंह त्रिभुवन, १९७३, पान ३२१.
[118] " I am the Subject of my essays because I (My self) am the only person whom I know throughly"

[119] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १४.

[120] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ८१.

[121] तत्रैव, पान ८२.

[122] तत्रैव, पान ८६.
[123] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १२२.

[124] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १५.

[125] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ८८.

[126] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १५

[127] 'निबंध के व्यक्तिगत होने का यह अर्थ नहीं कि उसमें विचारश्रृंखला न हो। ऐसा होने से तो वे प्रलाप कहे जायेंगे। संसार में हम जो कुछ देखते हैं वह दृश्य भी, विभिन्नता के कारण नाना भाव से प्रकाट होता है।'

[128] संपा. डॉ. चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान ६१ – १०७.

[129] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ९०.

[130] डॉ. शाह अशोक के, पाश्चात्य काव्य शास्त्र, जवाहर पुस्तकालय मथुरा - उत्तर प्रदेश, प्रथम संस्करण - १९९९, पान ७४.

[131] "The primary imagination present to the mind its own world as external to itself."

[132] डॉ. शाह अशोक के, १९९९, पान ७८ – ७९.

[133] we may properly define imagination or imagining as thinking of remote objects.

[134] डॉ शाह मु. ब, १९७३, ३७.

[135] संक्षिप्त निबंध की कसौटी इसलिए मानी गयी होगी कि कहीं वह अपने मूल विषय से छिटककर बिखर न जाय, या फिर विस्तृत होकर निबंध की काया में समा न जाय

[136] डॉ शाह मु. ब, १९७३, ३७.

[137] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १५

[138] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान ९३.

[139] तत्रैव

[140] तत्रैव, पान ९४.

[141] (Essai)

[142] यादव आनंद, १९९५, पृ १.

[143] तत्रैव पृ ६०.

[144] तत्रैव, पृ २.

[145] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, निबंधः सिध्दांत और प्रयोग, बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१, पान ११.

[146] "Essay is modley of reflection, quotation and anecdotes"

[147] डॉ. देशमुख दिलीप, २००६, पान १३.

[148] "je sui moi-meme lamatiere de monday livre"

[149] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान ८.

[150] डॉ. द्विवेदी हरिहरनाथ, १९७१, पान १२.
[151] तत्रैव पान १३.
[152] तत्रैव, पान १४.
[153] तत्रैव, पान १६ – १८.

[154] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान १०.

[155] संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब- खंड १, गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेजिस् ब्रागांझा, जून २००३, पान १२७.

[156] Chief Editor - Datta Amaresh, Encylopaedia of Indian Literature, Porf - Indranath Choudhuri, Secretary, Sahitya Akademi, New Delhi, 1995, volume 2, pg 1223.

[157] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान १२.

[158] तत्रैव, पान ११.

[159] तत्रैव

[160] तत्रैव

[161] तत्रैव पान १२.

[162] डॉ सरदेसाय माधवी, १ मार्च २०१०, कोंकणी निबंधा बद्दल केल्ली चर्चा, कोंकणी विभाग, गोंय विश्वविद्यालय.

[163] संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, दिवाळी अंक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, (गोंयांत गोंयकारांच्या हितसंबंदांची राखण - कुंदा पै) १९८५, पान ३४

[164] डॉ सु. म. तडकोडकर, डॉ रवीन्द्रनाथ मिश्र, कोंकणी समकालीन, भारतीय साहित्य कोश, खंड १, संपादक - सुरेश गौतम, संजय प्रकाशन दिल्ली भारत, २००८, पान ४३५.

[165] संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९७६, पान ४५.

[166] संपा. श्याम वेरेंकार, १९९७, पान १३.

[167] Chief Editor - Datta Amaresh, 1995, volume 2 , pg 1223.
[168] देसाय गुणाजी सदानंद, शणै गोंयबाबांलें कोंकणी साहित्य आनी समाजीक चेतना, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव, पठार, गोंय, unpublished Ph.D thesis, २००८, पान ४४.

[169] बांदेकार श्रीकांत संदेश, म्हाका आवडलेलें कोंकणी पुस्तक, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, विश्वनाथ ना. लवंदे, खास अंक, १९९९, पान ३३.

[170] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान १३.

[171] तत्रैव, पान १४.

[172] Chief Editor - Datta Amaresh, 1995, volume 2, pg 1223.

[173] संपा. वेरेंकार श्याम, कोंकणी ललित निबंद, साहित्य अकादमी, १९९७, पान १४.

[174] तत्रैव पान १५.

[175] तत्रैव

[176] तत्रैव

[177] तत्रैव पान १४-१५.

[178] तत्रैव पान १६.

[179] तत्रैव, पान १८

[180] तत्रैव पान १८-१९.

[181] तत्रैव

[182] तत्रैव

[183] तत्रैव, पान २० — २१.

[184] तत्रैव, पान २१.

[185] तत्रैव

[186] तत्रैव.

[187] शेट रामा तुकाराम, मनमोतयां, कोंकण टायम्स पब्लिकेशन, २००९, पान ५.

[188] संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान २२.

[189] तत्रैव, पान २६- २७.

[190] करमली नागेश (बंदखणीतली कोंकणी 'जोत'!), संपा शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, खास अंक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, १९८५, पान १६.

191 डॉ सु.म. तडकोडकर, डॉ रवीन्द्रनाथ मिश्र, कोंकणी समकालीन, भारतीय साहित्य कोश, खंड १, संपादक - सुरेश गौतम, संजय प्रकाशन दिल्ली भारत, २००८, पान ४३७.

192 संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान २५.

193 तत्रैव, पान २३.

194 फडके, श्रीधर. शंकर. दोंगरावेलीं मनशां, सोशल रीसर्च इन्स्टिट्यूट, परशूराम, १९९४, पान ३४

195 संपा. वेरेंकार श्याम, १९९७, पान २४.

196 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, २००३ पान ३४९.

197 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, २००३ पान ३४८, ३४९.

198 संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९७६, पान ४५.

199 डॉ. सक्सेना लालताप्रसाद, १९७३, पान ४०.

# ३. गोंयच्या कोंकणी निबंध साहित्याचो युगीन परिवेश

## विशय प्रवेश

गोंयची समाजीक परिस्थिती ह्या अध्यायांत गोंयच्या पुराय समाजीक परिस्थितीचेर सोद वावर केला. तशें पळोवपाक गेल्यार आयच्या काळांत गोंयच्या भूंयेचेर तरां तरांचे लोक नदरेक येतात. हे खातीर मागीर गोंयांत खंयच्या समाजाचे लोक रावतात हाचेर उजवाड घातला. गोंयांत सगळीं एकवटान रावतात. कसलोच भेद भाव हांगा रावतल्या लोंकांमदें दिसना. हे खातीर गोंय संवसारीक पांवड्यार फामाद आसा. गोंयचे समाज एकवटान रावतात ताका इतिहासीक कारणां आसात, पूण गोंयांत उपजल्ल्या ह्या समाजांतल्या लोकांचें मूळ सोदून काडपाचो प्रयत्न केला. जे तरेन मनशाची बोंबली ताचें नातें सांगता. तेच तरेन गोंयचें नातें खंय आसा हाचो खोलायेन सोद घेवपाचो यत्न केला. गोंयच्या सुंदर सैमा खातीर गोंयान संवसारीक पांवड्यार नामना मेळयल्या. गोंयची पुराय इतिहासाची म्हायती ह्या अध्यायांत दिल्ली आसा. कित्याक तर ह्याच इतिहासीक कारणा खातीर गोंयचो समाज घडला. ह्या अध्यायांत सोदवावर केल्ले प्रमाण गोंयांत जायते झुजारी वा राजा येवन गेले. देखीक - कदंब, शिलाहार, चालुक्य, अदिलशाह, आदी. तांचो समाजीक आनी संस्कृतीक परिणाम गोंयचेर जाल्लो नदरेक पडल्या बगर रावना. हो परिणाम कोंकणी निबंधांत मांडपाचो यत्न केला. गोंयच्या समाजाचेर जायते अत्याचार जाले. देखीक - हांगा जाल्ल्या बाटाबाटीक लागून हांगाचे लोक गोंय सोडून गेले. हो तेदेवेळा वयलो आनी आतांच्या काळाचो समाजीक प्रस्न जाला. हांगासरले लोक गोंय सोडून गेल्ले कारणान गोंयांतल्या आनी गोंय सोडून गेल्ल्या लोकां मदें समाजीक बदल जाणवता. हांगासरले कोंकणी लोक कित्या खातीर गोंय सोडून गेले? ताचे फाटलें कारण कितें? त्या नवीन सुवातींचेर वतकच तांच्यांत कसलो बदल जालो?. गोंयचो समाज कितलो बदल्लो हाचेर उजवाड घालपाचो यत्न ह्या अध्यायांत केला. गोंयची समाजीक रचना आनी गोंयकारांच्या सभावाचेर उजवाड घातला. गोंयची संस्कृती आनी सभ्यतायेचेर अध्ययन केलां. ह्या अध्यायांत सोदवावर करतना गोंयांक समाजीक नदरेन पुराय केंद्र धरून हांगाच्या संस्कृतीचेर आनी अस्मितायेचेर विचार केला. हे खातीर हांगाच्या समाजाच्यो जाती आनी जमाती, तांचें न्हेसप, रांदपाची पद्धत, जेवणाची पद्धत, सण परबो आनी धर्म हाचेर विचार केला. गोंयच्या राजकी, अर्थीक आनी शिक्षणीक मळांचेर सोदवावर केला. तेच तरेन गोंयांत जाल्ल्या उदरगती खातीर गोंयची बायल कशी साक्षर आनी सक्षम जाली हाचेर भासाभास

केल्या. आदल्या काळार समाजांत तितली जागरूयताय नाशिल्ल्यान. गोंयची बायलमनीस जेन्ना गोंय मुक्त जांवक नासलें तेदे वेळार घरांतल्यान भायर वचनासली. पूण आतांच्या बायलेंत बदल जाल्याचो जाणवता, आधुनीक गोंयची बायल नोकरी करून लेगीत आपलो घर संवसार बरे तरेन सांबाळूंक शकता, पूण गोंयचें नांव भारतांत वा परदेशांत घेतलें म्हणटकच सहज त्या लोकांक गोंय म्हटल्यार मौज करपाची सुवात अशें दिसता. पूण ह्या गोंयान कितल्यो खस्ती खाल्यात हाचो अदमास लेगीत कोण काडूंक शकचो ना. खंयच्याय मनशाक गोंय म्हणल्यार सहजतायेची सुवात जाल्या. हांगा घडटल्या घडणूकांक लागून गोंय चडशा वेळार बळी पडला. गोंयची कांयच चूक नासतना गोंयाक जायतें सोसचें पडलां. पूण गोंयची भूंय पवित्र आसा आनी ताका अपवित्र करतले आपलीच पवित्र जीण सांडून बसल्यात. पूण ह्या गोंयांत जो मनीस येता तो गोंयच्या मोगांत पडटा" I have fallen in love with Goa" हें वाक्य हांगा येतल्या भोंवडेकरांच्या तोंडांतल्या आयकूंक येता.[१] हेच लोक गोंयच्या मोगांत पडटात देखून गोंयांक जायत्या ब-या वायट परिस्थितीक तोंड दिवचें पडलां. ह्याच परिस्थिती खातीर गोंयांत जायतो बदल जायत रावलो. हो बदल आसलो समाजीक बदल. होच समाजीक बदल कोंकणी निबंध साहित्यांत जाणवता तशो त्या निबंधाच्यो देखी दिल्यात. आतां गोंयांत मुक्तताये आदलो समाज उरूंक ना. सगळे आतां चड व्यवहारी जाल्यात. ही जाली आयची परिस्थिती पूण आदल्या समाजांत कितें घडिल्लें तें जाणून घेवप चड गरजेचें थारता. ह्याच बदलत्या परिस्थिती खातीर गोंयच्या साहित्यांत लेगीत बदल जाल्ल्याचें जाणवता.

## ३.१ कोंकणी निबंधांतल्यान दिसपी गोंयचो सैम

जें कितें गोंयांत आसा, जांव वस्तू, जांव रित-रिवाज, जांव झाडां-पेडां, जांव सैम, जांव मनशां ... तें सगळें मेळुनूच गोंय पूराय जाता. म्हणटकच गोंयचो सैम कसो आसा हाचो सोद घेवंया.

## कोंकणी निबंधांतल्याल गोंयचो सैम निबंधकारांनी कसो चित्रायला तें पळोवया.

शणै गोंयबाबांच्या "मयेंच्या तळ्यार" ह्या निबंधांत गोंयच्या सोबीत वाठाराचें शणै गोंयबाबांनी बेस बरे तरेन वर्णन केलां "तळ्याचे तीन कुशींनी दोंगर आनी चौथे कुशीन नारव्यां वच्चो मार्ग आनी शेतां. काजी, कुंबये, कुडे, कुसरी. दिंडे, भेडस, पोटकळी असल्या तरेकतरा कुचकुचीत पानांनी भल्लेल्या झाडांनी दोंगर न्हेसल्यात. तांच्या मुळसांत आंबे, पणस, उणगी, भिंडी, माड, फोपळी हीं फळझांडां आपापल्या फळांनी

सामकीं भारावल्यांत. पोरण्या काळसार पांचव्या पानांतसून कुचकुचीत चारीच्या रंगाचीं तरणीं पानां वैर सल्ल्यांत. आंब्या-काजींचीं तंवरां आनी पणसाचीं दाबणां हांचो पर्मळ कुसडीच्या आनी कुड्याच्या फुलांनी मिसळून एकतरेचो जो मधुर वास सुटला तसलो यंत्रांनी अर्का काडूनूय केन्ना मेळचो ना. ह्या वासाचीं वर्णना करूं नज असो हो वास. सगळीं ल्हानव्हड झाडां मदीं पातळ्ळेल्या तळ्याच्या हारशांत आपापलें रूप पळौन ओखेतात. हें तळें म्हणचे दिवचल, मयें, नारवें आनी पिळगांव हांगाचे वनदेवतेच्या हातांतलो हारसो म्हळ्यार कामायता"[२]

अशे तरेचें कोंकणी वाठाराचें सुंदर वर्णन शणै गोंयबाबाच्या निबंधांत पळोवपाक मेळाटा. जशें गोंय आसा ताचे व्हडवीकेन पूराय रेखाचित्र शणै गोंयबाबान "मयेंच्या तळ्यार" ह्या ललीत निबंधांत दाखोवन दिलां.

दुस-या वाठारांत राबितो करूंक गेल्ल्या गोंयच्या लोकां मदें दुस-या वाठारांतली संस्कृती भरसली. भूगोल आनी इतिहासीक नदरेन विचार केलो जाल्यार निबंधांत प्रकाश पर्येंकार हांच्या "दवरणें" हातूंत गोंयचो भूगोल आनी सैम, इतिहास पळोवपाक मेळटा. ह्या निबंध संग्रहांत ह्या पूराय म्हादय न्हंयेच्या वाठाराचें दर्शन जाता. त्या न्हंये भोंवती राबितो करून राविल्ली मोनजात, सुकणीं, तरां तरांचीं नुस्तीं हांची बेसबरे तरेन लेखकान "दवरणें" ह्या संग्रहांत दखल घेतल्या. "मळणी"[३] ह्या निबंधांत लेखकाक कंठाळो येता. मळणेचो तरी लेगीत त्या चांन्या राती नटिल्ल्या सैमाचो उगडास लेखक अचूकपणान करता. हो पूराय संग्रह सैमान नटिल्लो आसा. पुस्तक वाचतना वाचकाक दर एका संग्रहांतल्या दर एका पानाचेर सैमीक वर्णना मेळटात. नदर मारीत थंय सैम जाणवता. "दवरणें" ह्या निबंधांत दवरण्या फाटलो इतिहास जाणून घेवपाक मेळटा. इतलें सुंदर सैमाचें चित्र दवरणें ह्या निबंध संग्रहांत पळोवपाक मेळटा. हाचे वयल्यान लेखकाक गोंयच्या भूयेंचो कितलो मोग आनी अभिमान आसा तें हो संग्रह वाचतकच जाणवता.

अशेच तरेचें भूगोलीक वर्णन मान्नी पुनव ह्या दत्ताराम सुखठणकार हांच्या निबंध साहित्य कृतींत पळोवपाक मेळटा. हो निबंध संग्रह १९७७ वर्सा उजवाडाक आयला. ह्या निबंध संग्रहांत पयलोच माशेल हो निबंध आसा. ह्या माशेल वाठाराची तोखणाय ह्या निबंधांत नदरेक येता. गोंयच्या माशेल ह्या वाठाराचें नांव कशें घडलें तें बेस बरे तरेन हांगा सांगलां. माशेल हें नांव महाशाला वेल्यान आयला. अशी आख्यायीका ह्या

संदर्भांत मेळटा. पूण गोंयची भूंय व्हड आशिल्ली हें हे भूमीचो अभ्यास करतना कळटा. पूण गोंयां व्हड शेतां आशिल्ल्यान माशेलाक महाशेता ह्या संदर्भांतल्यान तें नांव मेळ्ळां.[४]

अशे तरेची ही देख लेखकान दिल्या. गोंयच्या दर एका भूंय वाठाराक वा त्या वाठाराच्या नांवां फाटल्यान एक इतिहास आसा अशेच तरेचो इतिहास माशेल गांवचो पळोवपाक मेळटा.

अ.ना. म्हांबरो, "गोंयची अस्मिताय" गोंयच्या लोकांचें अज्ञान सांगतना लेखक म्हणटा, "गोंयचो आंवाठ केदो हें अजून चडशे गोंयकार नकळत. गोंयच्यो शिमो विचाल्ल्यार तांकां उदेंतेक अमकें, अस्तमतेक अमकें, उत्तरेक अमकें आनी दक्षिणेक अमकें हे सट करन सांगूंक येवपाचें ना."[५] अशे तरेची खंत लेखक उक्तायता. इतलेंच न्हय तर सास्ट, बार्देस, पेडणे आनी काणकोण ह्या म्हालांनी दादल्यां परस बायलां चड ह्या प्रस्नाचेर विचार करपाक लेखक गोंयच्या समाजाक प्रवृत्त करता. चंद्रकांत केणी हांचो "गोंय आनी गोंयकार" ह्या संग्रहांत "दर्याच्या नुस्त्याभायर न्हंयो, पोंयों, मानसो आनी तळीं आमकां नुस्तें दितात पूण विकासाच्या नांवांसकल आमी न्हंयो पुरोवंक लागल्यात. तळीं तर आतां सोंपतच आयल्यांत. एका काळार जीं तळीं शिंपणावळीक उदक दितालीं आनी लोकांक सावें नुस्तें दितालीं तीं पुरोवपाचें एक कारस्थान आमी चलयलां. जाणकार अशें म्हणटात की नुस्तें मारपाच्या वेवसायांत यंत्रांचो वापर जांवंक लागिल्ल्यान दर्याची सैमीक वेवस्था इबाडल्या."[६] ह्या खातीर गोंयचो समाज आयज नुसत्याक पातिशेर जाला. कित्याक तर भूगोलांत वा सैमीक रितीन जो बदल जाता ताचो स्वीकार ही भूंय करना. ते पासत कसलें अनिश्ट घडत हाचेर लेखक खंत व्यक्त करता. हे तरेच्यो खेरीत सैमीक देखी दिवन गोंयच्या समाजाक लेखक जागें करता अशें दिसता.

'कोंबो गेलो तारवार' हो अरविंद नारायण म्हांबरो हांचो निबंध संग्रह. ह्या निबंध संग्रहांत गोंय कशे रितीन प्रतिबिंबीत जाता ताचेर उजवाड घालूंया. गोंयांत रायबंदर हो गांव आसा. त्या गांवां बद्दल लेखक निबंधांत कितें म्हणटात तें पळोवंया - तशें पळोवंक गेल्यार आमच्या रायबंदरांत तुमकां व्हडले व्होडविकेन सांगसारकी एक्कूय गजाल ना. नांवान बरें हें रायाचें बंदर आसलें तरी दिसूंक सांमकें दळिद्रयाचें बंदर काय दिसता. निसर्गाचें सौंदर्य रायबंदरांत आसा खरें. पूण तें गर्व धरिसारकें न्हय. मुळगांव अस्नोड्या बी पावल्या मूं तुमी? थंयचेच सारकें, जांव शिड्डोणच्या तारीवेल्या देखाव्यासारकें हें सौंदर्य. ताची आनी

व्होडवीक तुमकां कितें सांगतलो? एकेवटेन आमचें रायबंदर पणजेच्या सामकें मांडयेक मांडी तेंकोवन बसलां खरें, पूण ही पणजी मात आपूण सगलें गोंयचें ऐश्वर्य भोगता आसूनय आपल्या ह्या पंटुराचेर सामके वांकडे नदरेनूच पळेता जावंये. पणजेंत घे म्हणून पलासी आसात - राजाची पलास, भिशमाची पलास- पूण रायबंदरांत पलास तर सोडाच सादें सिमेंत आमार्दाचें घर तुमकां सोदून लेगीत मेळचेंना.[७] अशे तरेन लेखक गोंयच्या एका गांवाचे (रायबंदर) बद्दल सांगतना गोंयचीं जायतीं खाशेलपणां सांगतात. गोंयच्या गांवच्या परिस्थितीचेर खोलायेन विचार करपाक गोंयच्या समाजाक लेखक प्रवृत्त करता.

'बिंबां पडबिम्बां' ह्या पुस्तकांत चंद्रकांत केणी आशाढांतलो पयलो पावस ह्या निबंधांत पावसाचीं सुंदर वर्णना करतना दिसतात. गोंयांत पावसाचें चड म्हत्व आसा. ताका गोंयांत पावसाचें काव्य दिसता. देखून ते म्हणटात. "पावसाचें काव्य खरेंच गोंयांत पळोवपा सारकें"[८] अशे तरेचो पावस गोंयांत पडटा हे खातीर गोंयची भूंय सैमान नटला. पूण लेखक मात गोंयच्या पावसाक काव्याची उपमा दिल्ल्याचें दिसता.

चित्रा कुडचडकार हांच्या "मनाचो हारसो" ह्या निबंध संग्रहांत गोंयच्या सैमाची जी तुस्त तोखणाय केल्या ची निबंध संग्रह वाचतकच जाणवता. देखीक - "गोंयच्या सैमाचें एक वेगळेंपण आसा. हांगा दर एका रोप्याचो आनी झाडाचो उपेग आसता. रोपे वखदी, कांय झाडां फुलांच दितात, जाल्यार कांय फळां दितात."[९]

अशे तरेची अपुरबाय गोंयच्या सैमाची ह्या निबंधांत दिसून येता. हेच निबंध संग्रह घेवपा फाटलें कारण म्हणल्यार म्हाका सोद वावर करतना देवनागरी कोंकणी निबंध संग्रहांत गोंयां संबंधांत निबंधाचीं तत्वां सापडल्यांत ते पासत हांवें कांय वेंचीक निबंधांचो आसपाव केला.

## ३.२ कोंकणी निबंधांतल्यान दिसपी गोंयचो इतिहास

गोंयचेर खंयच्या राज्यघराण्याचें राज्या आशिल्लें ताचेर नदर मारूंया. तेन्नाच गोंयच्या समाजाची दशा आनी दिशा स्पश्ट जातली. सगळ्यांत पयलीं मौर्यवंशाचें नाव घेतात, पूण त्याच काळांत दखखन प्रदेशार सातवाहन वा शालीवाहन हांची सत्ता आशिल्ली. तांच्या उपरांत कोंकण मौर्य, भोज, आभीर, चालुक्य, कदंब, राष्ट्रकुट, शिलाहार गोवा कदंब, देवगिरीचे यादव, दिल्लीचे सुलतान, बहामनी सुलतान,

विजयनगरचे राय, अहमदनगरची महमदशाही, विजापुरची आदिलशाही, पुर्तुगेज, मराठा आनी सौंधे असो साधारण क्रम आसा.[१०] पुराणकाळांतलें गोंय आतां आसा तशें नासलें. पयलींच्या गोंयचें चित्र वेगळेंच आसलें. ताचो विस्तार व्हड आसलो कित्याक तर राजा कंस हाका श्रीकृष्णान जिवेंशी मारतकच ताचो मांव बळिश्ट राजा जरासंध हाणें व्हड सैन्य घेवन मथुरेचेर घुरी घातली. हाका लगून श्रीकृष्ण आनी बलराम दक्षिणेंत पळून गेले. थंय जरासंधा वांगडा श्रीकृष्ण आनी बलरामाचें झूज गोमन्त पर्वताच्या मुळांत जालें आनी हो पर्वत दूधसागराच्या मुळांत आसा म्हणपाचो पुरावो पुराणांत मेळटा. इतलो पोन्नो आमच्या गोंयचो इतिहास आसा.[११] खारवी, गावडा, कुणबी आनी वेळीप ह्या जमातींक प्रोटो ऑस्ट्रोलॉयड मुंडारी अशें म्हणटाले. ह्या जमातींनी गोंयांक एक सुंदर खाशेली संस्कृताय दिल्ली. तांणी गांव वसयले आनी गांवकारी वा गांवपण ही ग्रामसंस्था तयार केली.[१२] तेन्नाच्यान गोंयचो समाज निर्माण जालो. इसवी सनाच्या दोन-चार हजार वर्सांपयलीं मांडवी-जुवारीच्या खो-यांत नवाश्मयुगी मानवी संस्कृती अस्तित्वांत आशिल्ली. सत्तरी, सांगें दोंगराळ प्रदेशांत कांय कडेन गुफा आसात. त्यो अश्मयुगी मनशाचें वास्तव्य सिद्ध करतात. नवाश्मयुगी मानवाच्यो हांगा ज्या तरेच्यो खुणो पळोवपाक मेळटात ताचे वयल्यान कळटा की नवाश्मयुगी संस्कृतीचे जनक ऑस्ट्रिक वंशाचे लोक आसपाक जाय.[१३] आर्यांनी गांवकारीचीं सुत्रां आपल्या हातांत घेतलीं. कुळवाडी-गावडे-वेळीप हांकां मुंडकार केले.[१४] ह्या काळार गोंयची सगली प्रजा चार विभागांनी वांटिल्ली आसली. खास युरोपांतल्यान आयिल्ले अधिकारी, पाद्री आनी हेर लोकांक "रैनॉइश" म्हणटाले. गोंयांत स्थाईक जाल्ल्या युरोपियनांच्या वंशजांक "काश्तीस" म्हणटाले. थळाव्या मुसलमानी आनी हिंन्दु बायलां वांगडा जाल्ल्या युरोपियनांच्या लग्न संबंधांतल्यान निर्माण जाल्ले संसतीक "मिश्तीस" म्हणटाले. हांकांच लुझो इंडियन अशेंय म्हणटाले. धर्मांतरीत जावन क्रिस्तांव जाल्ल्या हिन्दू लोकांक "कानारी" म्हणटाले. तेच तरेन हिंदू धर्माच्या लोकांक जेंतीयु म्हणटाले.[१५] युरोपियन वर्ग जेत्यांचो आशिल्ल्यान तांची परिस्थिती सगळ्या वाटांनी बरी आसली. तांचे सकयल लुझोइंडियन वर्गाक सरकारी अधिकार बी मेळटाले. उरिल्ल्या दोन वर्गांक युरोपियन तुच्छतायेची वागणूक दिताले. तातूंतले थळाव्या क्रिस्तांवांक सुरवेक सावन शिक्षण मेळिल्ल्यान सकयल्यो सरकारी नोक-यो, धर्मखात्यांतल्यो सुवाती सोपेपणीं मेळटाल्यो. हिंन्दूंक मात सरकारी दफ्तरांनी कसलीच नोकरी मेळनासली. गोंयांत १७७४ वर्सा मेरेन युरोपियन सामके खरपणान वर्णभेद मानताले. १७७४ वर्सा मार्केज द पोंबल हाणें हो वर्णभेद ना करून उडयलो. ताणें हिंन्दू लोकांक भायरावन हेर सगल्या लोकांचो एकूच वर्ग आनी एकूच दर्जो केलो. तशें

मानिनाशिल्ल्या लोकांक कडक ख्यास्त दिवपाचीय तजवीज केली. अशे तरेन सरकारी खात्यांनी आनी कायद्या मुखार जीत आनी जेत हो भेद ताणें ना करून उडयलो. हाचो भरपूर फायदो फकत थळाव्या क्रिस्तांवांनी घेतलो.[१६] पुर्तुगेजांक आपलो राजकारभार चलोवपाक येणावळ जाय आसली. ती येणावण पुर्तुगेज सरकार कर वसूल करून करताली. तशे गोंयचे लोक कदंब काळांत लेगीत कर दिताले पूण ते स्व खूशेन.

कर एकठांय करपाची पद्धत कदंब काळासावन आशिल्ली कदंब काळासावन गोंयचेर शेक चलोवपी राज्यकर्त्यां कडेन गोंयच्या गांवकारांनी जे करार केल्ले, तांचे प्रमाण दर एका गांवान आपले खोशयेन शासनकर्त्याक एक ठारावीक कर दिवपाचें मान्य करून घेतिल्लें, त्या कराक "खुशीव्रत" म्हणटाले. पुर्तुगेज शासनाच्या काळांत ह्या "खुशीव्रत" बगर दुसरो खंयचोच कर सरकार मागचें ना अशें आश्वासन गांवकारांक मेळिल्लें. अशें आसून लेगीत इ. स. १५३३ वर्सा "घोडेव्रत" नांवाचो नवो कर पुर्तुगेजांनी प्रजेचेर लादलो. ह्या खर्चांतल्यान घोडेस्वारांच्या पंगडाचो खर्च भागयताले. इ. स. १५३९ वर्सा कुळकर्ण्यांच्या वतनांचे जमनीचेर सरकारान "कुळकर्ण पापोशी" नांवाचो कर बसयलो.[१७] हेच वरी वेगवेगळ्या तरांच्या जमनीच्या करांचो आसपाव करून "फोर" ह्या एकाच नांवा खाला सरकार कर वसूल करपाक लागलें. हाका लागून गोंयच्या पूराय जमनीचेर सरकाराची मालकी साबीत जांवक लागली.[१८] इ. स. १७४५ वर्सा शेतां, नाल्ल, सूर आनी मिठागरांचेर आदारून सरकार "दीझिमुश" हो कर घेवपाक लागलें. हो कर शेंकड्याक पांच टक्के इतलो आसलो. हेच तरेन पुर्तुगेजांची भौंसल्यां वांगडा लडाय चलताली तिच्या खर्चाचे तरतूदी खातीर दर एके कोमुनिदादी कडल्यान तिचे नक्की येणावळीचो एक तृतियांश वांटो लडाय चलू आसा ते मेरेन दर वर्सा रीण म्हणून घेवपाचो ठराव घेतलो. हो कर सुमार ४२ वर्सां सनदशीर शासन व्यवस्था चलणूकेंत येई मेरेन लोकांनी भरलो. तो वेळ मेरेन ह्या जुलमी कराची सरकाराक ३४,७५,७७३ असुर्प्यो म्हणल्यार १७,२७,८८६ रुपयांची येणावळ जाल्ली. सनदशीर राज्यपद्धतीचे पयलेच गव्हर्नर बेर्नादु पॅरीश द सिल्व हांणी हो चडावत कर आपले कारकीर्दींत काडून उडयलो.[१९] १७७७ वर्सा पोरणे काबिजादींतले पुराय जमनीच्या नक्की उत्पन्नांतलो शेंकड्याक अर्दो टक्को इतलो एक वेगळो कर सरकारी कोमुनिदादींचेर लादिल्लो[२०] हाचे वेल्यान अशें नदरेक येता की पुर्तुगेज सरकार कर वसूल करून समाजीक सुधारणा करपाक त्या कराचो वापर करतालें.

पुर्तुगेज गोंयच्या लोकांक सतायता हें कळिल्ल्यान, तांच्या राज्या आड गोंयकारांनी साबार बंडां, उठाव केले. कुंकळ्ळे, असोळणें, वेरोडें, वेळ्ळे ह्या गांवच्या लोकांनी. सुमार १५८८ वर्सा पुर्तुगेजां आड पयलो वयलो उठाव केल्लो. पूण तांचे आड मोठो उठाव म्हणल्यार १७८७ वर्साचो. तो गोंयकार पाद्री आनी फौजी अधिका-यांनी घडोवन हाडिल्लो. कांदोळेच्या पिंटो घराण्यान तांकां दुडवांचो आदार दिल्लो हे खातीर ताका 'पिंटोचो उठाव ' म्हणून नांव पडलें.[२१] ताका 'पिंटोचें बंड' लेगीत म्हणटात. ह्या उठावाचीं सुत्रां हालोवपी पोर्तुगालाच्या भूयेंचेर पाद्री कायतानु व्हितोरिनु फरीय आनी फ्रांसांत आबाद फारीया ह्या नावान तांकां वळखताले.[२२] १८ जून १८४६ ह्या दिसा डॉ लोहियान बंडाचो बावटो उबारलो. ह्या दिसा गोंयकारांच्या मनांत आशेचें किरण फुटलें. "आझाद गोमंतक दल" क्रांतीकारक संघटनेची स्थापना केली. त्या वेळार "क्रांती पत्रक" बरोबर "आमचा लढा" आनी "नवजीवन" हांणी उत्सर्फूत प्रतिसाद दिल्लो. हाकाच लागून लोकांमर्दी नितीधीर आनी निर्भयता पयलीं परस वाडत गेली. दलाच्या प्रकाशना भायर दलान आझाद गोवा रेडीयो ह्या नावान गुप्त रेडीयो स्टेशन सुरू केल्लें. हो आयकपाक बंदी आसली आनी आयकतल्याक काडून बंदखणींत घालताले.[२३] १९४६ वर्सा गोंयच्या सुटके चळवळीक कडकडीत आरंभ जालो.[२४] हाच्या उपरांत भारत स्वतंत्र जावन लेगीत गोंय स्वतंत्र्याच्या सुखा पासून वनवासी आशिल्लें. पूण १९ डिसेंबर १९६१ ह्या दिसा ऑपरेशन विजय वरवीं गोंय, दमण आनी दिवाची सुटका केली. ह्या कालखंडा अंतरगत गोंयच्या समाजाचेर कितलो प्रभाव पडलो तो फूडें जाणून घेवया. दत्ताराम सुखठणकार हांचो "मान्नी पुनंव" हो निबंध संग्रह. तातूंतल्या "फटासो - साद्यो आनी सुरय" ह्या निबंधांत लेखकान एका प्रसंगांत मांडला तो गोंय, दांमांव आनी दीव हांगाचो एक प्रसंग पळोवया." आमच्या गोंयां, दामांव, दीवांत ... (मातशें विशयांतर करतां) गोंय दामांव दीव ही एक युनियन टेरीटरी देखून तांतल्या फक्त गोंयचोच उल्लेख करप कायद्यांत बसना. पयर कितें जालें, हांव बेळगांवां गेल्लों. थंय म्हाका एके पोलीस चौकेर वचचें पडलें. पोलिसान म्हाका विचारल्लें. तुजो जल्म खंय? हांवें म्हळें. "गोंया फातर्प्यां. पोलीस उसळलो. गोंय? काय गोंय, दामांव आनी दीव?"[२५] हाचेवेल्यान गोंय, दामांव आनी दीव हांचें नातें कितलें लागींचें आशिल्लें तें कळटा. इतलें आसून तेदेवेळार गोंय, दामांव आनी दीव हे वेगळे आसा काय ना ताचे फाटलें लोकांचें अज्ञान समजता. इतिहासीक नदरेन हाचें म्हत्व थारता. पुर्तुगेजांच्या तेंपार गोंय, दामांव आनी दीव एक आशिल्लें तें समजता. ते खातीर पुलिसांक लेगीत गोंय वेगळें हाचें भान लेगीत ना. ते पासत पोलीस बरयता आसतना गोंय, दामांव आनी दीव बरयता. अशे तरेच्या निबंधांतल्यान कोंकणी समाजांतल्या

मनशाचो इतिहास नदरे मुखर येता. गोंय, दामांव आनी दीव हाचें म्हत्व गोंयच्या समाजांत घुस्पल्ल्याचें जाणवता आनी ह्या इतिहासा फाटली मनस्थिती निबंधांत दिल्ल्या देखी वयल्यान स्पश्ट जाता.

अ. ना. म्हांबरो हांच्या "गोंयची अस्मिताय" ह्या निबंध संग्रहांत लेखकान गोंयकार आनी गोंयचो इतिहास ह्या निबंधांत गोंयचें सुंदर चित्रण केलां. ह्या निबंधांत लेखकान गोंयचो पुर्तुगेजां पयलीं आनी पुर्तुगेज कालीन इतिहास सांगपाचो यत्न केला. गोंय जर महाराष्ट्रांत गेलें जाल्यार गोंयच्या समाजाचें कितें जातलें हाचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला. गोंयच्या इतिहासाची गोंयकारांक चड म्हायती ना हें सांगपाचो यत्न लेखकान केला. हाचे वेल्यान गोंयकार कितलो भोळो आशिल्ल्याचें जाणवता. हेच खातीर पुर्तुगेज गोंयचेर साडेचारशीं वर्सां राज्य करपाक पावले.[२६] रामकृष्ण जुवारकार हांच्या "मंत्राक्षता" निबंध संग्रहांत, पुर्तुगेजां खातीर गोंयच्या गांवांची नांवां बदलपाक लागलीं. पणजेचें आदलें नांव पायणींत. पुर्तुगेज उच्चाराक लागून तें पांयजीं जालें. इंग्लीशींत तें पंजीम जालें. आतांच्या सरकाराक पणजी हें नांव अदीक सुसंस्कृत अशें दिशिल्ल्यान पणजी हें नांव अधिकृतपणान मानून घेतलें.[२७] हे तरेन गोंयच्या गांवच्या नांवांचीं विटंबना जाल्ली पळोवपाक मेळटा. ह्या वाठारांच्या नांवांवेल्यान गोंयच्या गांवपणाक जाग येता आनी गोंयचें मुळावें रूप जाणवता. पणजेच्या वेगळ्या वेगळ्या वाठारांचीं नांवां आदीं निसर्गीक आसलीं. मळ्यांत, भाटल्यांत, कोर्तींत, मानशेर, आल्तिन, कांपाल, चिंचेकडे, सावरीकडे, झरीकडे, पाट्यार, चार खांब्यांनी, अशे तरेचीं तीं नावां सोबसारकी आसतालीं.[२८] प्रकाश तळवणेकार हांचो "गोंय आनी गोंयकारपण" निबंध संग्रह. "हिंदु - क्रिस्तांव एकवट गोंयांत कसो वाडलो?" ह्या तांच्या निबंधांत पूर्तूगेजांनी गोंयच्या समाजाक कशे तरेन वागणून दिली ताचें स्पश्टीकरण करता. देखीक - "पूर्तूगेजांक आपणाल्या धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करपाची तळमळ ही आशिल्लीच. जायते कडेन तांणी कोणाच्या बांयंत शीत, कोणाच्या पाव, कोणाच्या घरार दुकराचें मांस उडयलें. बांयंत जावं घरांत अशो कसल्यो वस्ती उडयल्यो म्हणटकच त्या घरांतले लोक बाटले! ते आतां हिंदू उरूंक नात! ते क्रिस्तांव जाले! असो पाखले प्रचार करताले आनी ह्या प्रचाराक लोकय बळी पडटाले. कांय कांयकडेन आर्मांची भिरांत दाखोवन आनी मारपेट करून धर्मांतरां घडोवन लोकांक क्रिस्तांव केले. अशे तरेन सक्तीन बाटयल्ल्या लोकांनी आपणाल्या नात्यागोत्यांतल्या भावां भयणींक लेगीत घरांतल्या लोकांनी आनी समाजान ते आतां आमच्यांतले न्हय असो दिश्टीकोन दवरून तांचे बरोबरचे संबंद तोडून उडयले, तांकां समजून घेतलें ना."[२९] अशे तरेची गोंयच्या समाजाची परिस्थिती

आनी मनस्थिती लेखकान मांडपाचो यत्न केला जातूंतल्यान पूर्तुगेजांनी केल्ल्या अत्याचाराची बेस बरी म्हायती मेळटा.

## ३.३ समाजीक परिवेश

कोंकणी समाजाक जायत्या आडमेळ्यांक तोंड दिवचें पडलां. गोंयचो इतिहास पळयल्यार गोंयचो मुळावो समाज सामको शिंपडून पडिल्लो जाणवता. पूर्तूगेजांनी केल्ल्या आक्रमणा पासत गोंयचो समाज सामको विस्कळीत जालो. हे खातीर गोंयचो कोंकणी समाज गोंयाकडच्यान पयसावलो. ह्या कोंकणी समाजाक लागीं हाडपाचो यत्न कोंकणी निबंधान केला. देखीक वोंवळां जो संग्रह कारवार वाठारांत चड गाजिल्लो. त्या पुस्तकांत निबंधाची बुनयाद नदरेक येता. हातूंतले बरोवपी लेखक लेगीत वेगवेगळ्या वाठांरांतले आसात. "स्वाती" ह्या विष्णू नायकाच्या गोंयांत उजवाडाक आयिल्ला पयल्या निबंध संग्रहांत गोंयची अस्मिताय जागोवपाचो यत्न लेखका मर्दे पळोवपाक मेळटा. पदेर, नुस्तेकान्न, व्होंवळो, मास्तर, रायबारी, गोंयचो देमांद आनी बल्कांव अशे तरेच्या निबंधांनी गोंयच्या अस्मितायेचो आनी गोंयच्या समाजाचो दिश्टावो स्वाती ह्या निबंध संग्रहांत जाता.[३०] कोंकणी लोक रावतल्या जायत्या वाठारांनी पिडणूक पडिल्ल्यान कोंकणी भाशेक आनी कोंकणी समाजाक फावो तितलो वाडपाक वाव मेळूंक ना. देखून गोंयच्या कोंकणी समाजची वाड खूब सवकासाणेन जावपाक लागली. वेगवेगळ्या राज्यांनी रावतले कोंकणी लोक, कोंकणीचे प्रमाणीकरण वा कोंकणी भास वा लिपीचो वाद आसूं येता. कोंकणी समाज ह्या नात्यान ते देशांत व्हडविकेक पावल्यात. हेर समाजांचे पंगतीक बसूंक पावल्यात. अशा वेळार शणै गोंयबाबांचो उगडास आसप गरजेचो.[३१] १२९४ इसवी सनाक सावन सतराव्या शेंकड्याचे अखेर मेरेन कोंकणी समाज इतिहास निर्मील्ल्या अद्रुश्टाच्या फे-यांत सांपडिल्लो दिसता. ताका लागून मूळ कोंकणीतलो हो समाज चार प्रांतांनी फापसलो. देखीक गोंय, केरळ, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र. पूण तांचें मूळ पीठ गोंय आसा.[३२] निबंध अशे तरेचो साहित्य प्रकार जातूंतल्यान समाज नदरेक येता. समाजाची वेग वेगळीं आंगां निबंधांतल्यान दिसतात. निबंध साहित्य प्रकार हो समाजाचो हारसो अशें आमच्यानी म्हणूं येता. निबंध साहित्य प्रकारांत लेखकाची समाजीक अभिव्यक्ती पळोवपाक मेळटा. गोंय मुक्त जावचे पयलीं आनी जाल्या उपरांत जे समाजीक प्रस्न निर्माण जाले तांचें पडबिंब निबंधांत जाणवता. देखीक - समाजांतले रित रिवाज, कायदो, परंपरा, अंधश्रद्धा आनी हेर मान्यतायो. तेच तरेन बायल मनशेंत जाल्लो बदल. तिका पळोवपाची

समाजाची नदर कशे तरेन बदल्ली. समाजांत जाल्लो भ्रश्टाचार, बेमानपणा आनी आपसांत जाल्ल्या झगड्याचो परिणाम. तेच तरेन युवा वर्ग कशे तरेन बदल्लो हाचो प्रभाव समाजाचेर खरसाणेन नदरेक येता. हो बदल गोंयच्या कोंकणी निबंध साहित्याचो युगीन परिवेश ह्या अध्यायांत दाखोवन दिवपाचो यत्न केला. निबंध साहित्यांत ज्यो वाचपाक मेळटा त्यो सगळ्यो समाजांत घडिल्ल्यो घडणूको आसात. ह्याच घडणूकांतल्यान निबंध साहित्यांत प्रतिबिंबीत जाल्लो पळोवपाक मेळटा. समाजांत वावुरपी बायल ही समाजाची बुन्याद आशिल्ल्यान बायलांच्या जीणे विशीं जाणून घेवप गरजेचें थारता.

## बायलमनशेची जीण कशे तरेन बदल्ली

बापूय मरतकच चौदा वर्सां सकयल्या भुरग्यांक क्रिस्तांव मिशनरी पाद्री आपल्या ताब्यांत घेताले आनी तांचेर क्रिस्तांव धर्माचे संस्कार करताले. चल्याक लेगीत ह्याच तरेन वागयताले. ते पासत हिन्दु लोकांनी चल्याचें धर्म परिवर्तन जावचें न्हय म्हण एक युक्ती सोदून काडली. हे पासत हिन्दु लोक बापूय मरतकच आपल्या चलयांचीं लग्नां रोकडींच कारपाक लागले. कित्याक तर निदान लग्न जाला म्हण आपले चलयेचें धर्म परिवर्तन जावचें न्हय म्हण.[३३] पूण तरी लेगीत पुर्तुगेजांनी लग्न जाल्ल्या चलयांक लेगीत सोडूंक ना. देखीक सां मातीयश दिवाडे चो कृष्णा नाईक अश्याच एका चलये लागीं लग्न जाल्लो. पूण पूर्तुगेजांनी त्या चलयेक ताब्यांत घेवन ताचें धर्म परिवर्तन करून ताचें नांव मारीया आना दवरलें.[३४]

पयलीं जातीय आनी धार्मीक बंधनां चड कडक आशिल्लीं. आंतरजातीय लग्नां जायनासलीं, इतलेंच न्हय तर वेगळ्या जातीचे लोक एका पंगतीक केन्नाच बसनासलें.[३५] पूण गोंयांत क्रिस्तांव सुमार ४०% १९६१ वर्सा आसले ते आतां २६% जाल्यात. मुसलमान सुमार ७% २००३ वर्सा प्रमाण. हिन्दू ६६% २००३ वर्सा प्रमाण मेळटात.[३६] पुर्तुगेजांनी गोंयचेर आक्रमण केलें खरें. पूण तांणी हांगा समान नागरी कायदो लागू करून गोंयच्या हिंदू, मुसलमान आनी क्रिस्तांव समाजांतल्या लोकांक एका थरार हाडले आनी गोंयचे अस्तुरेक एक मानाचें स्थान आनी दादल्यावांगडा समान हक्क लागू केलो. अशे तरेचो व्हड समाजीक बदल गोंयांत जाल्लो दिसून येता[३७] क्रिस्तांव समाजाचो सहवास आनी "कोड नेपोलियन" हातूंतल्या बायलांच्या हक्का विशींची राखण करपी कलमां, तेच वांगडा, इ. स. १८५४ वर्सा जाल्लो आनी १८८० वर्सा सुधारिल्ल्या पुर्तुगेज कायद्याक लागून गोंयची हिंन्दू बायल लग्ना उपरांत आपल्या घोवाचे इश्टेटींत

कायदेशीर हक्कदार जाली.[३८] गोंयांत ९८% गोंयकारांचीं आडनांवां तांच्या मूळ गांवांकडेन जोडिल्लीं आसतात. देखीक साखळकर, पेडणेकर, चोडणकर, केरकर, आनी काकोडकर. अशे तरेचें खाशेलपण भारतांत हेर कडेन पळोवपाक मेळना तें गोंयच्या समाजांत पळोवपाक मेळटा.[३९] ह्या आडनांवावेल्यान हांगा रावतल्या लोकांचे आनी तांच्या गांवचें खाशेलपण जाणवता. पुर्तुगेजांनी गोंयकारांचे समाजीक जीणेचेर बरोच परिणाम केला. क्रिस्तांवकरण करपाचे प्रक्रियेंतल्यान अस्तंतीकरण जांवंक लागलें. हाकालागून गोंयकार भश्टले. गोंयच्या लोकांचेर बळजबरी करून इन्क्विझीशनांतल्यान तांकां जेवण-खाण, भेस, संगीत, चाली-रिती बदलूंक लायल्यो. त्या काळार गोंयांत सती पद्धती चलताली ताचेर पुर्तुगेजांनी बंदी हाडली. त्या भयर बायलांक हक्क आनी विधवांचीं लग्ना केलीं[४०] कांय प्रमाणान पुर्तुगेजांनी गोंयचेर ख्यास्ती केल्यान नदर आड करून जायना पूण सती पद्धती बंद केली. ही गोंयच्या समाजांतली अमानुश आनी कुप्रथा आशिल्ली. बायलांक हक्क आनी विधवांची लग्ना केल्ल्यान समाज सुधारणेचो आनी समाज प्रबोधन विचारांची दिका हांगा नदरेक येता. बांद्यांसावन कुमठा मेरेन अस्तंत देगेवयलो वाठार हो पुराय कोंकणी वाठार. अंकोलाचे दक्षिणेक हेर भाशिक लोकांचो राबितो आसलो तरी कोंकणी लोकांचो आंकडो जायतो आसा. कुमठ्याचे दक्षिणेक शिंपडिल्ल्या स्वरूपांत कोंकणी समाज रावता पूण चडसो सगळेचकडेन तो अल्पमतान आसा.[४१] पूण कोंकणी समाजाचें आनीक एक वेगळेपण आसा. कोंकणी ही पुराय समाजाची धर्म, संस्कार आनी एकचाराची भास. कोंकणी मनशालो धर्म खंयचोय आसूं, जात खंयचीय आसूं ताची भास कोंकणीच. कोंकणी भास समाजाक एकठावपी एक घट धागो.[४२] कोंकण प्रदेशांत आनी हेर वाठारांत जे लोक शिपडून पडल्यात खरें, तेच तरेन पांच लिपींच्या नदरेतल्यान कोंकणी मनशांक एकमेका लागीं संपर्क करपाक कठीण जांव येता, पूण एक लिपी जाणा आशिल्ले वेगवेगळे समाज विभागून ५ वाट्यांनी विभागून आशिल्यान तांच्यांत कोंकणीच समाज पळोवपाक मेळटा. आतां हांगा रावतल्या लोकां विशीं जाणून घेवंया. ते खातीर तांच्या धर्म आनी जाती विशीं जाणून घेवप चड गरजेचें थारता.

गोंयांत सगळे लोक एकामेकांच्या आदारान रावतात. गोंयांत हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान रावतात. तांचेविशीं गोंयच्या संदर्भांत जाणून घेवप गरजेचें थारता. फूडें गोंयांत खंयचे खंयचे समाज रावतात तें पळोवया. तांची थोडे भितर म्हायती जाणून घेवंया. ते समाज गोंयांत कशे पवले, तांच्यो जाती खंयच्यो, तांची संस्कृताय कितें. गोंयचो समाज आरोग्यान घट मुट आसा काय हो समाज विस्कळीत

(Desintigrated) जाला. समाज हो 'समाज' जावपाक ताची पुराय सामाजीक जीण काळजाच्या एकचारान एक जाल्ली आसूंक जाय. पूण गोंयांत विस्कळीत समाजाच्या जिणेचो रोग लागला. कित्याक तर तांणी आपल्यो आवय भासो वेगळ्यो वेगळ्यो मानल्यात. भास फक्त उलोवपा खातीर नासता. भास हें जर एक समाजीक तत्व जाल्यार त्या तत्वाचें एक सांस्कृतीक मळ आसूंक जाय. उलोवपा भायर वाचप, बरोवप, शिकप, शिकोवप हें सगळें त्या मळार ते भाशेंत चलूंक जाय. तेन्नाच संस्कृतिक परंपरेक एक तत्व उरतलें अशें नागेश करमलींचें मत्त आसा.[४३] कोंक जमाती वेल्यान कोंकवन वा कोंकण नांव ह्या प्रदेशाक पडलें आनी हो भोवूच पुर्विल्लो एक जनपद म्हणपाचो उल्लेख संस्कृत आनी तामिळ संगम सारकेल्या आदल्या साहित्यांत मेळटा. (धुमे, खैरे) ह्या आदिवासी लोकांचे वंशज आयज लेगीत गोंयांत आमकां म्हार, कुणबी, वेळीप, आदी जमातींनी दिश्टी पडटात (Jose Pereira)[४४] गोंयचे समाजीक, राजकीय, अर्थीक, सांस्कृतीक, शिक्षणीक, इतिहासीक आनी साहित्यीक परिस्थिक जेन्ना नियाळून पळयतात तेन्नाच कोंकणी समाजीक मोख समजतली. गोंयच्या राजकीय इतिहासा भोंवतणी आमचो समाजीक आनी संस्कृतीक इतिहास गुंथिल्लो आसा.[४५] त्या नदरेंतल्यान फूडें विस्तारान पळोवया.

## गोंयचो हिंदू समाज आनी संस्कृताय

गोंयांतलो हिंदू समाज हो चड पोन्नो आसा. जेन्ना ह्या वाठारांत हेर धर्मांचे लोक नासले तेन्ना सावन हिंदू समाज ह्या वाठारांत आसा. भायल्या राजकर्त्यांनीं गोंयचेर राज्य केल्ल्यान गोंयांत हेर धर्म पावले. पूण गोंय हें हिंदू बहुसंखेचो प्रदेश आसा.[४६] सोळाव्या शेंकड्याच्या सुरवाती सावन समाजांत चालू आसा ती जातिंची मांडावळ सुरू जाली, अशें म्हणटात.[४७] सादारण गोंयांत दोन तृतीयांश इतली बहुसंख्या आशिल्लो हिंदू समाज गोमंतकेतर भारतांत हिंदू समाजाप्रमाण जाती आनी पोटजातींनी विभागून गेला.[४८] पुर्तुगेज गोंयांत येतकच हिंदूंचें कितें जाता तें पळोवया. धर्मीक दृश्टीन पळयल्यार, पुर्तुगेज कारकीर्द चार काळांत विभागूंक येता. पयलो १५१० ते १५४० धर्मांतरण सौम्य रितीन घडोवपाच्या प्रयत्नांचो काळ. दुसरो, १५४० - १८२६ बळजबरीन केल्ल्या धर्मांतराचो आनी धर्मीक छळाचो काळ. ह्या काळाच्या उत्तरार्धाचो आनी धर्मीक मेकळिकेक, ल्हवू-ल्हवू सुरवात जाता. तिसरो, १८२६ ते १९१० सापेक्ष धर्मीक मेकळिकायेचो काळ. नवे राजघटणेन (A CARTA CONSTITUCIONAL) हिंदूंक आपलो धर्म पाळपाक मेकळीक दिल्ली, पूण राजधर्म क्रिस्तांव जाल्ल्यान तांकां बंधनां घातिल्लीं. चवथो १९१० उपरांत धर्मीक मेकळीकेचो आनी

नागरीक समतेचो काळ. पुर्तुगालाक प्रजासत्ताक राजवट येता. राष्ट्र धर्मनिरपेक्ष जाता. सगल्या पुर्तुगेज नागरिकांक, धर्म, रंग, जात वा वंश, हिशेबाक धरीनासतना समान हक्क मेळटात.[४९]

## हिंदू घरांची बांदावळ

हिंदू समाजांतल्या लोकांचीं घरां सुख सुविधेच्या नदरेन क्रिस्तांव लोकांच्या घरां इतलीं नीट आनी आरामशीर नासलीं. पोरण्या काबिजादींतलीं हिंदूंचीं घरां चडशीं क्रिस्तांव घरांचे बांदावळी प्रमाण दिसतालीं. पूण नव्या काबिजादींनी दर धा  पंदरा वर्सांनी जावपी बंडां आनी तातूंतल्यान जावपी लूटमार हे सारके परिस्थितीक लागून आनी विस्कळीत अशे लोकवस्तीक लागून थंयचीं घरां बांदतना सुविधे परस आपल्या सुरक्षिततायेचेरूच भर दिल्ली आसताली. सुमार तिनशीं सवाय तिनशीं वर्सां गोंयांत रैनॉइश, काश्तीस, मिश्तिस आनी कानारी ह्या लोकांत संघर्श चलतालो. हे पासत बाटाबाटीच्या काळांतल्यान जावपी जूलूम, अत्याचार वेगवेगळ्या काळखंडांत वेगवेगळ्या वर्गाच्या हातांत फुडारीपण गेल्ल्यान जाल्लें लुकसाण धर्माचे भिरांतेन आसूं, सुविधेच्या अभावन आसूं वा सवळेपणाचे भिरांतेन आसूं, राजकारभारांत प्रवेश मेळोवंक गरजेचें आशिल्ल्यान पुर्तुगेज भाशेच्या गिन्याना कडेन आडनदर करपाचें आत्मघातकी धोरण आसूं, ह्या सगल्या घडणुकांक लागून हिंदू समाज क्रिस्तांव समाजाच्या आगळिकां खालाच उरलो आनी अर्थीक नदरेन लेगीत तो सकयल्या पांवड्यार उरलो.[५०]

## गोंयचो क्रिस्तांव समाज आनी संस्कृताय

१५६७ वर्सा 'से' चे इगर्जेंत पयलो कोंसीलिय प्रोव्हिंसियाल भरून, तातूंत हिंदूंक कशे तरेन बाटोवचें आनी पिडा पिड करपाची थारणूक जाली. ह्या उपरांत तांणीं साष्टींतलीं ३०० देवळां मोडून उडयलीं. अशे तरेन हांगाच्या हिंदूंची पिडापिड करून गोंयांत क्रिस्तांव धर्माचो उगम जालो.[५१] हे धर्मांतरीत नव क्रिस्तांव जाती भायरे जावचे न्हय म्हणपाच्या हुस्क्यान, तांकां वेगळें काडून संघटीत करचे खातीर म्हणून Confraria de Santa Fe म्हणल्यार "पवित्र धर्माची संघटना" ह्या नांवाची १५४१ वर्सा एक संस्था स्थापली. अशे रितीन, आमच्या लोकांतल्यान गोंयांत धर्माचेर आदारून नव्या क्रिस्तांव उपसमाजान आंग घेतलें. फिरंगी येवचे आदीं गोंयां कांय क्रिस्तांव लोक आशिल्ल्याची नोंद मेळटा. ह्या लोकांनी आपल्या सोय-यां धाय-यां कडेन कसलोच संबंध दवरचो न्हय म्हण इंक्विझिशनान फरमाण काडलें. फरमाणां आड तांणी नव्या उपसमाजाक

आपल्या नीज पाळां मुळांतल्यान पयस व्हरपाचो प्रयत्न केलो. तांच्यो चाली रिती आनी लग्न-कार्यांत तांच्यातलो एकचार पयसावलो.[५२]

पूर्तूगेज शासनाच्या काळांत सुरवेचीं सवायशीं ते देडशें वर्सां युरोपियनांच्या वर्चस्वाचीं आसलीं. १७७४ वर्सा उपरांत हें वर्चस्व नश्ट जांवक लागलें. समाजांत लुझोइंडियन आनी देशी क्रिस्तांव अशे दोन पंगड दिसूंक लागले. १८७० वर्सा लुझोइंडियनांचें वर्चस्व नश्ट जालें आनी देशी क्रिस्तांवांच्या युगाक सुरवात जाली. हाचे आदल्या काळांत लुझोइंडियन देशी क्रिस्तांवांक उणाकपणाचे भावनेन वागयताले तरी देशी क्रिस्तांवांक राजकर्त्यांचे भाशेंतल्यान शिक्षण मेळटालें. ह्या शिक्षणाक आनी वेगवेगळ्या सवलतींक लागून नवक्रिस्तांव समाजान समाजांत आपली एक खाशेली सुवात जोडली. गोंयांत नवक्रिस्तांवांनी आपलो धर्म बदलचे पयलीं ज्यो आदल्यो जाती आशिल्ल्यो त्योच क्रिस्तांव धर्म आपणायल्या उपरांत लेगीत चालू दवरल्यो. देखून गोंयच्या क्रिस्तांवां भितर बामण, चाड्डे आनी सुदीर अशे वर्ग अस्तिस्वांत उरले. एकुणिसाव्या शेंकड्यांत लेगीत बामण आनी चाड्डे हांचे मजगतीं राजकारणांत आपलें वर्चस्व स्थापन करचे पासत सर्त जाताली. तांचेमदीं खावपा जेवपाचें बंधन नासलें तरी चल्या चलयांचें लग्न करूंक मेकळीक नासली. क्रिस्तांव समाजांत पुराय सत्ता बामण आनी चाड्डे हांचे भितरूच आशिल्ली दिसून येता.[५३] फूडें क्रिस्तांव धर्मांत कितले पंथ आसात ते जाणून घेवंया. क्रिस्तांव धर्मांत कॅथॉलिक, प्रोटेस्टंट, सीरियन आनी बॅप्टिस्ट अशे पंथ आसात.[५४] आनीक एक अजाप म्हणल्यार गोंयांत हिन्दू वरी क्रिस्तांवांत लेगीत पोट जाती आसात. देखीक - क्रिस्तांव बामण हो प्रकार घडये गोंयांतूच मेळपाचो.[५५] अशें जावपा फाटल्यान गोंयच्या समाजाक इतिहासीक कारणां आसात कित्याक तर पुर्तुगेजांनी गोंयच्या उच्च वर्गांक बाटोवन क्रिस्तांव केल्ले. फूडें हे लोक मागीर क्रिस्तांव धर्म पाळपाक लागले. पूण तांच्यांत तितले जाती भेद दिसनात. एक गजाल खरी की तांच्यांत हिंदूं प्रमाण जाती आसात. पूर्तुगेजांनी हिंदुंक क्रिस्तांव केल्या बरोबर तांचे जल्म, मरण, लग्न हे संस्कार क्रिस्तांव धर्मा सारके जावपाक लागले.[५६] जे क्रिस्तांव जाले ते नवक्रिस्तांव आशिल्ल्या कारणान तांचे संस्कार सुटले पूण तांच्यो चालीरीती मात सुटूंक नात. देखीक व्हंकल न्हव-याक तेल हळद लावप, ओवयो म्हणप, चुडो भरप आदी. [५७]कांय रिती हिन्दू धर्मांत दिसतात घडये बाटाबाटी खातीर जांवये, पूण तांच्यो सणपरबो नाताळ,[५८] ईस्टर वा पास्कां,[५९] चर्चीचीं फेस्तां,[६०] समाजीक सण कार्निव्हाल[६१] गोंयच्या क्रिस्तांव उच्चवर्णीय आनी बहुजन समाजांत एकत्र कुटुंब पद्धती

दिसता. पूण हालीं चले आपलें लग्न जालें म्हणटकच आपली वेगळी चूल मांडटात.[६२] ही पध्दत आधुनीक युवा वर्गांत नदरेक येता.

## सण परबो आनी संस्कृताय

नातलां उपरांत तांची म्हत्वाची पासकां परब जाता. हो जेझू क्रिस्ताच्या पुनर्जिवंतपणाचो दीस. ताचे आदीं चाळीस दिसांचें कोरेस्म म्हणपाचो प्रायश्चिताचो काळ आसता. उपरांत गोबरा बुधवार जाता (Ash Wednesday) तो मागीर पवित्र सतोळ्यांत सोंपता. फूडें निमणो सुक्रार (Good Friday) येता.[६३] क्रिस्तांव समाजाची संस्कृताय तांच्या खाणा जेवणांत दिश्टी पडटा. तांच्या समाजांत खाणा जेवणाचे पद्धतींत मासाचें प्रमाण चड सरलां. जरी नुस्त्याक प्राधान्य आसा. सकाळीं उंडो, मस्को, तांतीं, चपाती, जेम आनी पेज आसल्यार दनपरां सोप, मांस, भाजी आनी शीत कडी नुस्तें आनी फळ खावपाची चाल आसा. रातचें जेवण, सांजची मागीर चा अशी तांचे खाणा जेवणाची पद्धत आसा.[६४] ते उपरांत बाकिचे जल्म लग्न आनी मरण हे संस्कार तांच्यांत आसात.

## गोंयचो मुस्लिम समाज आनी संस्कृताय

गोंयांत मुस्लिम समाज लेगीत खाशेलो थारता. हो धर्म गोंयांत सगळ्यांत पोन्नो धर्म आसा, कित्याक तर गोंयांत मुस्लिम जमात क्रिस्तांवां पयलीं आसली. पूण गोंयांत हेर धर्माचे लोक चड आसात, मुस्लिम मात अल्पसंखेंत आसात.[६५] इ. स. च्या धाव्या शतकांत गोंयांत अरब- मुसलमानांच्या व्यापाराचो उल्लेख मेळटा.[६६] अशें म्हणटात की १०५० - १०८० त राज्यसत्तेर बसपी कदंब राजा जयकेशी हाचो मंत्री "शद्दामा" नांवाचो अरब जावन आसलो आनी हाचेच राजवटींत राजमार्गांनी भरिल्ली "गोवापुरी" नांवाची राजधानी निर्माण जाल्ली.[६७] हे अरब भारताच्या अस्तंत दर्या बंदरार येताले आनी म्हाल विकत घेवन परत वताले. तांच्यांतलो मधुमद (महंमद) एक सधन व्यापारी आशिल्लो. ताचो चलो पयल्या जयकेशी कदंबाचो प्रधान मंत्री आशिल्ल्याचो गोंयांत सांपडिल्ल्या संस्कृत ताम्रपट्याचेर उल्लेख आसा. गोंयांत हिंदूंक बाटोवन मुसलमान करपाक सुमार चौदाव्या शतकांत सुरवात जाली. सुमार १३६७ वर्सा विजयनगरच्या राजान मुसलमानांक धांवडायसर सुमार अर्ध शतक गोंयांत मुसलमान रावले. फूडें १०० वर्सां जातकच बहामनी आनी आदिलशाह ह्यो दोन मुसलमानी राजवटी गोंयांत आयल्यो.[६८] गोंयच्या हिंन्दूंक बाटोवन मुसलमान

केल्ले. तांणी गोंयांत मूर्तिभंजन आनी धर्मांतरण ह्या दोन गजालींचेर खर भर दिलो. पूण जेन्ना पूर्तुगेजांचें आक्रमण गोंयचेर जालें त्या वेळार गोंयांत दोन तरेंचे मुसलमान आसले. पूण तातूंत बाटयल्ले मुसलमान चड प्रमाणांत आसले.[६९]

## सण वा उत्सव

मोहरम हो सगळ्यांत व्हड सण, बकरी ईद, रमजान ईद वा ईदे मिलाद, रोजे म्हणल्यार उपास वा उरूस म्हणल्यार जात्रा अशे तरेच्यो तांच्यो परबो आसात.[७०] शिक्षणांत तांचो समाज सामको फाटी पडलो कित्याक तर धार्मीक शिक्षण ते चड गरजेचें मानतात. पूण हालीं हालीं गोंयांत तांच्यांत शिक्षणाचो प्रचार जावपाक लागला.[७१] तांची कुटुंब पद्धती सगळ्यांनी एकठांय रावप. हिन्दू आनी क्रिस्तांव रावतात त्याच प्रामाण.[७२] राजकी मळार कमी शिक्षणाक लागून मुसलमान भाव वयर सरूंक पावले नात. शिक्षणीक मळार लेगीत मागाशिल्ले आसल्या कारणान मुसलमान समाजांत दोतोर, वकील, ऑफिसर, प्रोफेसर, सारके हुद्दे सांबाळपी लोकांचो आंकडो साप्प कमी आसा.[७३]

## स्वतंत्रताये उपरांत गोंयचो मुसलमान समाज

गोंयांत हालीं जे मुसलमान गोंयकार मेळटात ते कर्नाटक वा भायल्यान आयिल्ले गोंयकार मुसलमान. गोंयांतल्या मुसलमान समाजाची परिस्थिती तितली सुधारिल्ली नाशिल्ल्यान तांचे जायते तरणाटे अरब देशांत वतात. ह्या कारणाक लागून मुसलमान समाजांत आतां सुधारणा आयल्या. तांच्यो बायलो घर सांबाळटात. अरब देशांत नोकरेक आशिल्ल्यान तांची वागणूक लेगीत बदल्ल्या. व्हाडा अजापाची गजाल म्हणल्यार बुरखो घेवपाची जी पद्धत तांच्यांत चड प्रमाणांत दिश्टी पडटाली ती हालीं हालीं नाच्च जायत चल्ल्या. बायलो साड्यो, सलवार कमीज घालतना दिश्टी पडटात. तांच्यांत शिक्षणाचें महत्व समजूंक लागिल्ल्याची जाणविकाय दिसून आयल्या. हाकाच लागून तीं आपल्या भूरग्यांक कॉन्वेंट स्कूलांनी घालतात, पूण गरीब मुसलमान आपल्या भूरग्यांक धर्मीक शिकवण दिवपाक उर्दू शाळेंत घालतात. तांच्या घरचो बापूय घरांत नाशिल्ल्यान आनी अरब देशाचो पयसो मेळिल्ल्यान, कांय प्रमाणांत तांचीं भूरगीं सैर भैर जाल्ल्यान तांची वागणूक बदल्ल्या. भायल्यान आयिल्ले आनी गोंयकार जाल्ले मुसलमान कारागीर आसात. ते गोंयांत भाड्याच्या घरांनी आनी झोपडपट्टींनी रावतात वा सरकारी घरांनी रावतात.[७४]

गोंयांतल्यो मुसलमान बायलो सर्वसाधारणपणान भांगरा वस्तू घालतात. लग्नाच्या दबाज्याक तर तीं भांगरान भरिल्लीं दिसतात, पूण धर्मीक नदरेन दादल्याक भांगर वर्ज्य आशिल्ल्यान तांचे दादले भांगर घालतात हे नदरेक येता. तांच्या खाणा जेवणांत चड करून शीत नूस्तें आसता. भायल्यान आयिल्ले रोटी सब्जी खातात. आयतारा हलाल केल्ल्या बोकड्याचें आनी गायेचें मास खातात.[७५] अशे तरेन मुसलमान समाजाची सर्वसाधारण समाजांत वागणूक आसा.

अ. ना. म्हांबरो, "गोंयची अस्मिताय" ह्या संग्रहांतल्या "गोंयकारांचो धर्म आनी जाती" ह्या निबंधांत गोंयांत रावतल्या लोकां विशीं आनी तांच्या धर्म विशीं भासाभास केल्या. गोंयांत वेगवेगळे राज्यकर्ते येवन गेल्ले ते पासत गोंयांत वेगवेगळे धर्म पळोवपाक मेळटात. हांगासर रावतले लोक समानतायेच्या भावान रावतात. देखीक "गोंयांत धर्म तीनः, हिन्दू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान (मोयर). पूण अशें आसून लेगीत गोंयकारांक धर्म लागना. ह्या देशांत गुजराथ्यांक धर्म लागता. कानड्यांक धर्म लागता. मद्राश्यांक धर्म लागता. मराठी लोकांक धर्म लागता. फक्त गोंयकारांक तितलो तो लागना. गोंयकारांक नुस्तें लागता. दुडू लागता. हेर सगल्यो गजाली लागता. फकत लागना तो धर्म." [७६] लेखकाचें सांगपाचें तात्पर्य म्हणल्यार गोंयचो समाज सद्भावान रावता. हांगा चड धर्मामदें भेद दिसना. अशे तरेन गोंयकार कसो एकचारान रावता ताचेर उजवाड घालपाचो प्रयत्न ह्या निबंधांत दिसून येता.

दिनेश मणेकर हांच्या, "वेंचिल्ले खीण" ह्या संग्रहांत सण परबो सगळयाच गांवानी जातात पूण तांच्या फाटली आख्यायिका वा अंधविश्वास आज लेगीत गोंयच्या समाजांत दिसतात. देखीक - वेंचिल्ले खीण ह्या निबंध संग्रहांतलो तर धंदो बुडचो ना ह्या निबंधांताली देख पळोवया. "सांग्यार फेस्त म्हळें कीं म्हाका बेश्टोच भंय दिसता. जाण्टेले सांगतात सांग्यावेल्या फेस्ताक तिसाल लागता, तेन्ना वाहन सांबाळून चलोवंक जाय. अपघाताचें अपसरण आनी कित्याक अशें म्हणून हांव केन्नाच कोणाक सांग्यार फेस्ताक यो म्हणून आपयना."[७७]

हाचे वेल्यान गोंयच्या समाजाचो अंधविश्वास समजता. त्या अंधविश्वासा फाटलो गोंयांत रावतल्या समाजाचो भावार्थ जाणवता. ह्या संवादांतल्यन समाजांत त्या प्रमाण कोणाक जर फेस्ताक आपयत तर अरिश्ट् घडटा. पूण जाताय तशेंच फेस्ताक आपोवंक नाशिल्ल्यान अजय फोरसान फेस्ताक येना आनी

कुत्रो मदीं आयिल्ल्यान अपघात जाता. अशे तरेचो प्रसंग जंय गोंयच्या लोकांचो चड भावार्थ आसा. जांबावलेचो गुलाल हो गोंयचो उत्सव. ह्या उत्सवाक लोक व्हडा भावार्थान वतात. ह्या गुलालाची सांगड लेखक मनशाच्या प्रवृत्ती लागीं करुन पळेता. गुलालाचें स्वरूप कशें बदल्ला तें ह्या देखींत पळोवया. मनीस भौरूपी ...... गुलाल भौरूपी ह्या निबंधांत लेखक म्हणटा "जांबावले दामबाबाचे पालखेक गुलाल घाले शिवाय गुलाल खेळनासले. आतां बसींतल्यान देंवतनाच गुलाल खेळपाक लागतात. दामबाब बाबडो थंयच उरता! गुलाल खेळटना बाकी एकमेकांचीं खुमणींच पळोवपाचीं. हरशीं मनीस सादो भोळो कसो वागता. ताच्या आंगांत लिपिल्ले रागरंग सोपेंपणी लोकांक दिसनात. गुलाला दिसा रंगिल्लीं तोंडां पळयतना मात हो भितरल्या सभावाचो तोंडार उमटिल्लो रंग बी न्हय मूं असो दुबाव येता."[७८] हाचे वयल्यान लेखक पयल्या लोकां मदीं जो गुलाल खेळपा फाटलो भावार्थ आशिल्लो तो आतां दिसना ताचेर लेखक लक्ष केद्रींत करपाक सोदता. अशे तरेन मनशांच्या सभाव गूणा फाटलो भाव सांगचो यत्न आनी गोंयच्या समाजांतलो बदल लेखक दाखयता.

## गोंयच्या समाजांतली बायल

टी. बी. कुन्हा हांची भाची बेर्ता मिनेझीस ब्रागांझ ही गोंयचे सुटकेखातीर वावुरपी गोंयातली पयली बायल वावुरपी तेच तरेन पयली बायल सुटके झुजारी.[७९] गोंयची बायल फाटल्या काळांत तितली सशक्त नासली. आपल्या घरच्या हुंब-या भायर ती वचनासली. पूण गोंयच्या बायलांमदीं सौ शशिकला काकोडकर हांणी गोंयांत क्रांती केली. ती गोंयची सगळ्यांत पयली बायल मुखेलमंत्री जाली. फाटल्या काळांत सादारण पांचवी मेरेन शिक्षण जातालें आनी लग्नाचो अर्थ कळचे पयलीं तांकां सव्यार बसयतालीं. पूण आतां गोंयची बायल बदल्ल्या. तिणें सगळ्या क्षेत्रांनी आपलीं पाळां पसरल्यांत. देखीक राजकी, वैजकी, साहित्य, शैक्षणिक, कला आनी कायदो.[८०] शंबर वर्सां फाटीं गोंयच्यो बायलो साक्षर वा सुशिक्षित आशिल्ल्यो काय नाशिल्ल्यो हें सागूंक येवचें ना. पूण तांकां आपल्या धर्माच्यो पौराणिक कथा खबर आसताल्यो. त्यो फुडल्या पिळगे पर्येंत पावयताल्यो. १९१० उपरांत गोंयच्या शाळांक संस्थात्मक रूप आयलें. त्या वेळार मराठी शिक्षण घेवपी चलयांची संख्या वाडिल्ली.[८१] १९४० वर्साच्या उपरांतच्या काळांत कांय चलयो इंग्लीश शिक्षणा कडेन वळल्यो, पूण मॅट्रिकपर्यंत शिकपी चलयो खूब कमी आसताल्यो. कित्याक तर ह्यो परिक्षा दिवपाक चलयांक गोंयां भायर वच्चें पडटालें. तांकां भायर धाडप कठीण जातालें. १९६१ वर्सा गोंय

मुक्त जाल्या उपरांत गोंयांत महाविद्यालयां सुरू जालीं आनी उच्च शिक्षण घेवपाक सुरवात जाली.[८२] आनी अशे तरेन गोंय मुक्त जाल्या उपरांत गोंयच्या चलयांचें भविश्य परजळीत जावपाक लागलें.

दत्ताराम सुखठणकाराच्या मान्नी पुनंव संग्रहा विशीं हांवें हें पयलींच सांगिल्लें. आळशी आनी शिमरी ह्या दोनूय निबंधांनी गोंयच्या समाजाचो स्वभावगूण सांगला. जगभर गोंयचो समाज सुशेगात म्हण फामाद आसाच. ह्या निबंधांत गोंयकार सगळ्याच क्षेत्रांनी वावुरतात, पूण त्या क्षेत्रांत निपूणताय मेळचे पयलीं आपूण व्हड विद्वान जाल्ले वरीं मिरोवप हो गोंयकारांचो सभाव गूण ह्या निबंधांत नदरेक येता. तेच तरेन आळशी आनी शिमरी ह्या निबंधांतली ही म्हण पळेयात "आळशी उठूंक शिमरें शिकलें."[८३] ह्या म्हणी वेल्यान गोंयच्या समाजाचेर उजवाड पडटा. म्हणल्यार कितेंय करूंक वतलो जाल्यार कसलेंय निमित्त धरून तें काम करप ना. असो गूण ह्या निबंधांत नदरेक येता. आपल्या लागीं जें आसा तातूंत सुखी रावपी अशे तरेचो स्वभाव गूण लेखकान ह्या निबंधांत मांडला.

## ३.४ संस्कृतीक परिवेश

संस्कृती आनी अस्मिताय ह्या दोनूय उतरांचो विचार करता तेन्ना त्यो एकाच नाण्याच्यो दोन बाजू आशिल्ल्याचें समजता. पूण जयंतीबाय लोकमंथन ह्या संग्रहांत कोंकणी अस्मितायेच्या सांबाळांत बायलांची भुमिका ह्या निबंधांत संस्कृती आनी अस्मिताय अशे तरेन विचार व्यक्त करतात. "'अस्मिताय' हें उतर संस्कृत 'अस्मिता' ह्या उतरावेल्यान घडलां. अस्मिता ह्या अतराचो अर्थ संस्कृत शब्दाकोशांत अभिमान, अहंकार असो मेळटा, पूण अस्मिता उतराचो घोळणूकेंतलो अर्थ 'वळख', 'खाशेलपण' असो आसा आनी तो खास करून 'समाज' संकल्पनेकडेन जोडिल्लो दिसता. अस्मिताय उतराच्या ह्या घोळणुकेंतल्या अर्थाक धरून कोंकणी अस्मिताय म्हणजे 'कोंकणी समाजाची वळख', संवसारांतल्या हेर समाजामदीं ताका वेगळो थारोवपी ताचें खाशेलेंपण असोच आसा. कोंकणी अस्मिताय हे संकल्पनेचें कोंकणी संस्कृताय हे संकल्पनेकडेन घट नातें आसा. कोंकणी अस्मितायेचें दर्शन, कोंकणी संस्कृतायेच्या लोक गितां, लोक काणयो, लोक कला, लोक उत्सव, लोक परबो, लोक समज, लोक चाली, लोक अन्न, लोक भेस, लोक शिंगार, लोक बांदावळी ह्या आंगांच्या माध्यमांतल्यान मुखेलपणान घडटा. तांच्याच माध्यमांतल्यान कोंकणी समाजान फाटलीं शेंकड्यानी वर्सां कोंकणी अस्मितायेची जतनाय करून दवरला. कोंकणी संस्कृतायेच्या,

कोंकणी अस्मितायेकडेन आशिल्ल्या ह्या नात्याक लागून बरेच फावट तिका 'कोंकणी अस्मिताय' ह्या नांवानय पाचारिल्ली दिसता."[८४] बा. द. सातोस्करा प्रमाण गोमंतकांतली मूळ संस्कृती प्रोटो ऑस्ट्रॉलॉइड लोकांची आसूं येता.[८५] सरासरी गोंयांत ह्यो संस्कृती मेळटात.

आदिम संस्कृती (आदिवासींनी स्वता बरोबर सांबाळिल्ली)

कोंकण संस्कृती (प्रदेशाच्या सैमीक आनी भौगोलीक परिस्थिती खातीर आपणायल्ली)

दक्षिणेकडली राजवट (मुस्लिम राजसत्तेच्या परिणामान)

आफ्रो एशियन (व्यापार आनी सैनीक ह्या कारणा खातीर)

पूर्तुगेज राजवट[८६] द्रविडी संस्कृतीचो प्रभाव. हेमाडपंथ वा यादव अवशेष आसात. तेच तरेन महाराष्ट्र वा मोगलांचो प्रभाव दिसून येता.[८७] हातूंतल्यान गोंयची संस्कृताय नदरेक येता. पयलींच्या काळांत गोंयची संस्कृताय हिंदुच आसली, पूण जशीं गोंयचेर आक्रमणां जयत रावलीं तशी गोंयची संस्कृताय बदलत गेली अशें इतिहासा वयल्यान समजता. हे पासत पूराय गोंयचें रूप बदल्लें. आदिलशाहान गोंयचेर आक्रमण केले आनी तांणीं हाडिल्ले लोक संस्कृतीचे प्रकार म्हणल्यार वीरभद्र आनी घोडेमोडणी गोंयची जाली. पूर्तुगेज हे पाश्चात्य आशिल्ल्या कारणान तांच्या संस्कृतीची भर गोंयांत पडली.

तेच तरेन लग्न संस्कृती दिसून येता. तेदे वेळार हिंन्दू प्रमाण क्रिस्तांव लोक गायन करताले, चुडो भरताले, ओटी भरताले आनी मांटव परतणी अशे तरेचे संस्कार दिसून येताले. हिंन्दू लोक शिगमो खेळटात जाल्यार क्रिस्तांव लोकांचो पयलीं इंत्रुज आशिल्लो तो आतां कार्निवल जाला. हिंदू लोक धालो खेळटात जाल्यार क्रिस्ती कुणबी गावडा बायलोय धालो खेळटात. शिवोले हिंदू क्रिस्तांव एकठांय येवन जागर हो लोक नाट्य प्रकार करतात. हीच गोंयची खरी संस्कृताय. चांदर ही कदंबांची राजधानी आशिल्ली. हांगा क्रिस्तांव लोक हिंदू प्रमाण मुसळ नृत्य करतात. ह्या वेळार हे लोक पाटार दिवली पेटोवन दवरतात पूण दिवली ही चडशी हिंन्दूच लोक वापरतात. तेदे वेळार देंवचाराक सूररोंट दितात. इतलेंच न्हंय तर हांगाचे सगले क्रिस्तांव लोक कुळदेवीचो कौल प्रसाद घेतात. जगांतल्या क्रिस्तांव समाजांत फकत गोंयांत जाती जमाती दिसून येतात.[८८] घडये हिन्दूंत जाती आसात आनी हिन्दू क्रिस्तांवांक बाटयल्ल्या कारणान गोंयांत क्रिस्तांव समाजांत जाती मेळटात.

एक पंगड आठव्या शेंकड्याच्या सुमाराक घडये कोंकणांत पावलो जायत म्हणपाचो अदमास आसा कित्याक तर, तांणी स्थानीक आदिवासी लोकांची जमीन आनी जमीन-वेवस्ता आपली केली आनी तांचे लागीं लग्न संबंद जोडले जायत, जशी 'गांवकारीं' ची संस्था आनी 'गोत्रांत हाडपाची' आनी हेर चाली रिती दाखोवन दितात, आनी तांचे भाशेची मेळगर जाल्ली एक नवी संयुक्त संस्कृताय घडोवन हाडली, जिका कोंकणी संस्कृताय म्हणूं येता.[८९] गोंयकारांची "शीतकडी" ही तांची खरी संस्कृताय दिसता.[९०] बायल केंसांच्या खोंप्यांत माळटल्यो वस्ती भोवूच विविधतायेच्यो आशिल्ल्यो, जशो सुरंगां वळेसर, शेंवतें, तुरो, साळकां, वज्रथिकां, नळमणयांची माळ, पोवनांचें गांठलें, मण्यांची गळसरी, फुगदोर, गागरपाट, पाटली, पांयजणां, किरंगूळां, मनकुट्यो, मुद्यो ह्यो देखी खाशेल्या कोंकणी उतरांची गवाय दितात.[९१] हातूंतल्यान कोंकणी संस्कृतायेचेर उजवाड पडटा.

गोंय ह्या ल्हान प्रदेशाचेर वेगवेगळ्यो राज्य सत्ता, वेगवेगळ्या काळा अंतरगत, वेगवेगळ्या भूमीभागार आशिल्ल्यो राज्य दंड, वेगवेगळ्यो जाती, धर्म आनी हांगा रावतले लोकां खातीर हांगाची संस्कृती संपन्न जायत रावली. पूर्तुगेज सरकारान हांगाच्या लोक जिणेचेर आनी संस्कृतीचेर जो घण घातिल्लो म्हण लोकांनी घडये हांगासरली परंपरा चोरयांत जपून दवरली. हांगाच्या लोकां मदें धर्मांतरण जाल्लें आसलें तरी लेगीत ते हिन्दू आशिल्ले कारणान तांणी आपली परंपरा सोडून दिवंक ना.[९२] आल्बुकेर्कान गोंय जिखलें त्या वेळार मुसलमान लोकांच्या हत्याकांडा वेळार गोंय जुव्यांवेले जे हिंदु लोक पळून गेल्ले तांकां परतून आपोवन आलबुकेर्कान जें आश्वासन दिल्लें ताका ताणें पाळो दिलो ना. ताणें तिसवाडी जुंव्यावेलें कदंब काळा वेलें व्हडा नामनेचें सप्तकोटेश्वराचें देवूळ मोडून ताचे सुवातेर एक इगर्ज बांदली.[९३] ह्याच इगर्जेंतल्यान गोंयचे संस्कृतायेचें दर्शन घडटा. गोंयांत सगळ्यांत चड फामाद सेंट झेवियराचें फेस्त जें डिसेंबरच्या म्हयन्यांत पोन्न्या गोंयां जाता. हें गोंयचें सगळ्यांत व्हडलें संस्कृतीक दायज[९४] दिल्लीचो लाल किल्लो वा आग-याचो ताजमहाल हांचे परस शंबर वर्सां आदल्यो आमच्यो पोरण्या गोंयांतल्यो इगर्जो.[९५] गोंयकार आपल्याचेर अरिश्ट आयले बगर नाजाल्यार उपास मार जाले बगर, गोंय सोडून केन्नाच वचूंक नात. ते आपलीच जमीन वसैनात ते दुस-याली खंय वसयतले. आपल्या आज्या पणज्यांनी घाल्ल्या रांदनी पल्लांत बसून ते पेज निवळ खावपी असले तरेचे हे गोंयकार. दुसरे कडेन म्होवांच्यो झरी व्हांवतात जाल्यार लेगीत ते वटेन ते नदर लेगीत करपी न्हय. आपणाकडेन आसा तातूंत ते समाधानी रावपी.[९६] हाचे वयल्यान गोंयच्या मनशाची सुशेगात प्रवृत्ती समजता. गोंयचे कांय संस्कृतीक घटक घुमट लोकवाद्य, मांड

ही संस्था आनी संकल्पना, देंवचार आनी दैवीशक्ती पद्धत, शिगमो आनी धालो, तरंगां हीं देवाचीं प्रतीकां, तालगडी हो नृत्याचो प्रकार.[९७] गावडा आनी कुणबी हांणी जेन्ना गांव वसयलो तेदेवेळार मांड ही सुवात संस्कृतायेचें खरें प्रतीक. हांगाच शिगम्याची सुरवात जाली. त्याच वेळार जागोर, धालो, फुगडी, गावण, काणी, गुडुल्यां गितां फुल्लीं.[९८] तेच तरेन तोणयामेळ आनी गोफ हे गुजराती दिशिल्ले प्रकार आसात जे गोंयांत खेळटात.[९९] खेत्र, सांजांव आनी जागोर[१००] कांय मध्यमवर्गी हिंदू समाजांत अशे तरेच्यो चाली रिती आसात. देखीक- गुढीपाडवो, रामनवमी, हनुमानजयंती, वसंतपूजा, हळदीकुकुम, वटपौर्णिमा, नागपंचमी, मंगलागौरी, सूर्यपूजा, सोमार, नारळी पौर्णिमा, कृष्णजन्माष्टमी, गणेशचतुर्थी, गौरी, वामनद्वादशी, अनंतचतुर्दशी, पितृपक्ष, नवरात, ललितापंचमी, सरस्वतीपूजन, कोजागीरी, दिवाळी, गोरवां पाडवो, एकादशी, तुलसीविवाह, रंगपंचमी तेच तरेन हिन्दू धर्मांतले सोळा संस्कार आसात.[१०१] गोंयचो चडसो लोक हो मांसाहारी. हो लोक चड करून शीत आनी नुस्तें खावपी. हो तांचो मुख्य अन्न घटक. ह्या वाठारांत चड करून दर्या देग आशिल्ल्यान हांगासरले चडशे लोक दर्यांत मेळिल्लें नुस्तें खातात.[१०२] गोंयांत भात पिकता तेचतरेन दोंगराचेर  पिकपी पिक हें नाचणी, कुळीथ, वरी, मिरी, हळद, मिरसांग, भिरंड, आनी तूर [१०३] ह्या धान्यांचें उत्पन्न गोंयचो लोक काडटात.

खंयच्याय मनशाक आपली संस्कृताय कळपा फाटलें एक कारण आपूण गोंयकार, आपली अस्मिताय वेगळी, आपली भाशा वेगळी. गोंयां भायर महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांनी विखरून पडिल्ल्या कोंकणी समाजान कोंकणी संस्कृताय पोटलून धरल्या.[१०४] संस्कृती म्हणटकच काळ, प्रदेश आनी समूह हे तीन घटक प्रादेशिक संस्कृतीचो दर्शक आसा. काळ जसो बदलता, प्रदेश प्रमाण आनी समुहा प्रमाण संस्कृती बदलत आसता.[१०५] गोंयच्या भूमीचेर जायत्या जाणांनी राज्य केल्ल्या कारणान गोंयचे संस्कृतींत बदल आयला. हांगासरल्यो राजवटी बदल्ल्यो तसो हांगासरल्या संस्कृतींत लेगीत बदल जायत रावलो. गोंयचें खाण जेवण, न्हेसप, उठप-बसप, लोकजीण आनी व्यवसाय बदलत रावले. गोंयच्या हिंन्दूनी इतिहासीक कारणांक लागून आनी काळाची गरज म्हणून मराठी संस्कृताय आपणायली, आयजूय गोंयचो हिंन्दू समाज संस्कृतीक नदरेन महाराष्ट्राक सगल्यांत चड लागीं रावला.[१०६] गोंयांतल्या लोकांच्या जेवणांत शीत आनी नुस्तें चड प्रमाणांत मेळटा तितलें तें घाटावेल्या लोकांच्या जेवणांत मेळूंक पावना, कारण भुगोलिक कारणाक लागून गोंय ह्या प्रदेशांत तांदूळ आनी नुस्तें चड प्रमाणांत पिकता, तितलें तें घांटार पिकना, शीत-कडी ही गोंयची प्रदेशीक संस्कृती.[१०७] गोंयच्या क्रिस्तांवांत जातीभेद मेळटात. तांच्यांत बामण,

चाड्डो, आनी सुदीर अशो तीन जाती मेळटात. ही गोंयची मुखेल संस्कृताय.[१०८] गोंयच्या उदेंतेक सह्याद्री आनी अस्तमतेक अरबी समुद्र हे भुगोलिक रचनेक लागून कोंकणाच्या वांट्याक चड पावस मेळटा. हाका लागून तांदूळ, नाल्ल, आंबे, पणस, काजी, सुपारी सारकी चड पिकावळ हांगा जाता. कोंकणांतल्या लोकांच्या जेवणांत आनी हेर खाणांत हे पदार्थ चड प्रमाणांत आसतात. खारट हवेक लागून नाल्लांचें पीक बरें येता. हाका लागून कोंकणाच्या जेवणांत आनी हेर रिती रिवाजांनी नाल्लाक प्राधान्य दिल्लें आसा.[१०९] समाजांत नवीन प्रस्न उबे रावतात. जसो जसो काळ बदलता तसो मनीस बदलता हीच देख हांगा पळोवपाक मेळटा. देखीक - देवाची पूजा सोवळें न्हेसून करप हो मूळ संस्कार. आतां सोवळें न्हेसप परवडना आनी जमना म्हणून त्या जाग्यार फक्त एक वालो वा तुवालो खांदार उडोवन पूजा करप जाता. दर म्हयन्याक मासिक पाळयेच्या वेळार रांदचे कुडीक आफडप ना हो संस्कार आयज निदान शारांत तरी लोकांनी सामकोच भायर मारला. गोंय आतां बदल्लां. गोंयांत आतां साद्याच पद्धतीन पूजा जाता.[११०] गोंयांत कालो जाता.[१११] ह्या काल्याचें गोंयांत व्हड म्हत्व आसा. धर्मीक आनी संस्कृतीक नदरेन हो प्रदेश एकात्मतायेचो. देवळां, देव-देवता, काले, जात्रा, तरंगां, जाती, घराची बांदणी, खाणां जेवणां, चाली रिती, लग्नाकारणांनी जूळिल्ले संबंद, हाकाच लागून हो प्रदेश एकात्म आसा. कोंकणी क्रिस्तांवांची वस्ती, तांच्यो जाती पाती आनी संस्कार.[११२] गोंयात जें जें मेळटा ती गोंयची संस्कृताय जाता. देखीक देवळां, ग्रंथ, भास, उद्योग धंदे, सण परबो हें सगळें गोंयांत आसा हें गोंयचें संस्कृतीन दिल्लें दायज जाता. मनीस जल्माक येत सावन ताच्या मर्णामेरेनची ताची सगळी वेवस्था संस्कृतीन करून दवरल्या. म्हणल्यार बारसो कसो करप, लग्न कशें करप, मर्ण कशें करप, हाचेर विचार करपाची गरज ना. हाची वेवस्था आदींच केल्ली आसा. वास्तू, साहित्य, भास, उद्योगधंदे समाजीक चालीरिती ह्यो सगल्यो गरजेच्यो गजाली आमकां संस्कृतीपासत आयत्यो मेळयात. म्हणटकच आमच्यान अशें म्हणू येता मनशांच्या जिणेंत जें आसा ती संस्कृती जाता.[११३] ज्या वाठांरात मनीस रावता वा त्या वातावरणाचे, परिस्थितीचे जगप आपणावन घेता. त्या प्रदेशा प्रमाण तांच्या ढाच्यांत आपल्याक ओतून घेता ह्याच वागणूकेक संस्कृती म्हणू येता. हे सगळे संस्कार गोंयांत नदरेक येतात. भास, संस्कृताय, आनी अस्मिताय ह्यो तीन एकामेकांकडेन घट संबंद आशिल्ल्यो एकामेकांतल्यान वेगळांवक जायना अशो संकल्पना. भास संस्कृतीचें वाहन. भशेक कुशीक काडून संस्कृताय जिवी उरना. त्या त्या समाजाची संस्कृताय ही त्या त्या समाजाची अस्मिताय आसता. त्या त्या समाजाची वळख आसता. संस्कृताय शेणून अस्मिताय उरना तशें अस्मिताय व्हगडावन, संस्कृताय तिगना. अशें संस्कृताय आनी अस्मितायेचें घनिश्ट नातें आसा. गोंयांत परकी राजवटी चड जाल्ल्या कारणान

गोंयचो इतिहास बदल्लो, संस्कृती बदल्ली, हांगासरल्या समाजाचेर परिणाम जाल्ल्या कारणान हांगासरलो समाज बदल्लो. हांगासरल्या समाजाचेर बरे वायट परिणाम जावपाक लागले. ह्याच समाजाचो परिणाम गोंयच्या साहित्याचेर जावपाक लागलो. साहित्याचेर परिणाम जाल्ल्या कारणान गोंयांत जायते वेगवेगळे साहित्य प्रकार जल्माक आयले. जसो जसो गोंयचेर आघात जायत गेलो तशें तशें गोंय लेगीत ते आघात सोसुन सशक्त जायत रावलें. पूण तातूंतल्यान गोंयाक धिटाय मेळ्ळी आनी गोंयची उदरगत जायत गेली. आयज गोंयचें समाजीक स्वरूप पळयलें जाल्यार गोंय कितलें मुखार पावला तें नदरेक येता. गोंय कसल्याच क्षेत्रांत फाटी ना. पूण गोंयची खरी संस्कृती जाणून घेवपाक जाय जाल्यार सांगे रिवण हांगासरले धांदोळे फणसायमळ परिसरातलें प्रस्तर रेखाचित्र पळयाल्यार कळटा.[११४] कुर्डीतलें महादेवाचे मंदिर[११५] पालयेंतली वारूळाच्या रूपांतली श्रीभूमिका देवी,[११६] कुडणें गावातलीं प्राचीन थडगीं,[११७] हरवळेच्यो गुफा[११८] सोनाळ हांगासरले वीरगळ,[११९] झर्मेंतल्यो सप्त मातृकांच्यो मूर्ती,[१२०] फोंडा हांगासरली शहापुरी मशिद,[१२१] म्हादय हांगा सत्तरी कृष्णापूर सीमेर पवित्र मानिल्लें पिस्त्याचें कोण,[१२२] कृष्णभट्ट हाचें डोंगरी आशिल्लें इतिहासीक घर[१२३] काणकोण बोरूसकरांचें घर[१२४] सॅ कॅथेड्रेल चर्च[१२५] रेईश मागूशच्या किल्ल्याचे जिर्णावशेष[१२६] मुळगांव नानोडा रस्त्याशेजराक आशिल्लें दवरणें,[१२७] हातूंतल्यान गोंयची संस्कृताय फलीत जल्ली नदरेक येता. फूडें निबंधांत कशे तरेन संस्कृतीचेर उजवाड घातला त्यो लेखकांच्यो देखी समजून घेवंया.

दत्ताराम सुखठणकाराच्या मान्नी पुनंव ह्या संग्रहांतल्या "आलमपेड्ड्यार" आनी "होंवळो" ह्या निबंधांत. आलमपेड्ड्यार आनी होंवळो हीं गोंयचीं संस्कृतीक पात्रां. आलमपेड्ड्यार हें अस्तमतेकडचें उतर. ह्या उतराचो गोंयांत चड प्रभाव आसा. तर होंवळो हें उरत गोंयचें मूळावें उतर. ह्या दोनूय उतरांनी गोंयची संस्कृताय नदरेक येता. कित्याक तर पुर्तुगेजांचो गोंयचेर प्रभाव आशिल्ल्यान आल्म पेर्दिद[१२८] ह्या उतरावेल्यान आलमपेड्ड्यार हें उरत आयलां. मूळांत आल्म पेर्दिद हें पुर्तुगेज उतर. कोणा गिरेस्ताचो चलो वा चली आसूं येता. चड करून खंयच्याय मनशाची वागणूक समाजाक फाव सारकी आसना तेन्ना त्या मनशाक आलमपेड्ड्यार म्हणटात. अशे तरेन जो मनीस मुळावो गोंयचो आसा. तो मनीस खंयच्याय वायट करणी करतल्या मनशाक पळोवन आलमपेड्ड्यार म्हटले बगर रावचोना. आलमपेड्ड्यार ह्या उतरांतल्यान गोंयची अस्मिताय नदरेक येता. तर होंवळो हेंय उतर गोंयच्या संस्कृतीक नदरेन म्हत्वाचें आसा. होंवळो हें उतर अशा मनशाक म्हणटात जो मनीस लग्न कार्याक बोवाळटा. म्हणल्यार गोंयचें लग्न आनी कोण

व्हॉवळ्यागिरी करता अशें चूकून जाता, वा असो जो लग्नाक चड जबाबदारी घेता, सगळ्या कामाक आपून फूडें फूडें जाता अशे तरेच्या मनशाक होंवळो म्हणटात. म्हणटकच ह्या दोनूय पात्रांक गोंयांत वेगळेंपण आसा. अशे तरेचीं गोंयच्या समाजांतलीं आनी कोंकणी संस्कताय परजळीत करपी उतरां मान्नी पुनंव ह्या निबंध संग्रहांत लेखकान बेस बरे तरेन दाखोवन दिल्यांत.

दत्ताराम सुखठणकारच्या मान्नी पुनंव, ह्याच निबंध संग्रहांत "नम्रतायेचें नाटक" हातूंत मनशाच्या नम्रते विशीं भासा भास करतात. संवसारभरच्या मनशांमदें नम्रतायेचेर ह्या निबंधांत उजवाड घातला. गोंयांतल्या नम्रते विशीं सांगतना ही देख पळोवया. "गोंयां तुका वेगळें कितें दिसलें? ताणें सांगलें, " वेगळें कांय ना. पुण थंयच्या लोकांची नम्रताय मात म्हाका जगावेगळी दिसली". अशें म्हणून ताणें म्हाका एक बशीच्या ड्रायव्हरान आनी कंडक्टरान एका म्हाता-या पेसेंजराक कितल्या मनीसपणान ताच्या घरामेरेन पावयलो हाचें वर्णन केलें."[१२९] म्हणल्यार गोंयच्या समाजांत नम्रताय आसा ती आयची वा कालची न्हय ती पयलीं पासून गोंयच्या मनशां मदें आसा. ही गोंयची नम्रताय लेखाकन निबंधांत देख दिवन नदरेक हाडल्या. हेच खातीर गोंयकार भारतच न्हय तर संवसारीक पांवड्यार फामाद आसात.

अ. ना. म्हांबरो, "गोंयची अस्मिताय" ह्या संग्रहांतल्या "सोबीत गोंय" ह्या दुस-या निबंधांत गोंयची तुस्त गायता. ह्या निबंधांत गोंयां पासून पयस आशिल्ल्या कोंकणी समाजाची आनी गोंयकारांची उमळशीक दाखोवपाचो यत्न लेखकान बेस बरेतरेन दाखयला. हाचे वेल्यान गोंयां पासून पयस आशिल्ल्या गोंयकारांक गोंयचो कितलो मोग आसा तो दिसून येता. दोन गोंयकार गोंयां भायर मेळ्ळे जाल्यार गोंयचेर चड उलयतात. कसलीय कारणां काडून गोंयां परत परत फावट मारतात. इतलेंच न्हय तर गोंया साकून गोंयच्यो वस्तू हाडून घेतात. इतलो गोंयां पासत मोग भायर आशिल्ल्या गोंयकारां मदें दाखोवपाचो यत्न ह्या निबंधांत नदरेक येता. गोंयकारांक एक वेळ गोंय मानवलें म्हणल्यार अजाप न्हय. पूण गोंया साकून गेल्ले लोक गोंयची तुस्त केल्या बगर रावनात. पुर्तुगेजांनी लेगीत सगळ्या वसणूकां भितर गोंय प्रदेशाची सगळ्यांत चड तुस्त केल्या हें लेखाकन निबंधांत उक्ताडार हाडपाचो यत्न केला. गोंयकारांची संस्कृताय ह्या तिस-या निबंधांत लेखक गोंयच्या संस्कृती विशीं उजवाड घालपाचो यत्न करता. गोंय मुक्त जातकच गोयकारांनी गोंयच्या संस्कृतायेचो कशे तरेन उद्धार केला हें सांगपाचो यत्न लेखकान केला. साडेचारशीं वर्सां गोंयकारांनी कितें केलें काय हो विचार करपा सारको प्रस्न आसा. ह्या काळांत गोंयचो समाज

पुर्तुगेजांची संस्कृताय आपली म्हण रावताले आसूं येता असो लेखकान अदमास काडला. शेवटाक संकृतायेचेर भासाभास केल्या उपरांत लेखक अशे तरेचो निश्कर्श काडटा. "सादारणपणान भारतीय संस्कृतायेची जतनाय गोंयच्या हिंन्दूनी केली आनी परकी संस्कृतायेची जतनाय क्रिस्तांवांनी केली अशें आमच्यांनी म्हणूं येता."[१३०] गोंयकाराचीं नम्रपणां आनी प्रमाणीकपणां हीं सगळ्यांत व्हडली संस्कृती. तो मनीस मागीर खंयच्याय धर्माचो वा जातीचो आसूं. गोंयची संस्कृताय म्हणल्यार हांगासरली, कोंकणी भास, मांडो, संगीत आनी संगीतकार, लोकनाच आनी लोकगीतां, तियात्र आनी सिनेमा, कार्नीव्हाल,[१३१] फेस्तां, सण परबो, नव्या पिकांची परब, कला आनी कलाकृती, खाणां जेवणां, चर्च, सेमीनारी, देवळां, मसजीद हीं सगळीं गोंयची संस्कृती.[१३२] गोंयांत उलयतली भाशा मराठीची बोली काय स्वतंत्र भास हाचेर वाद जायतो जालो आनी आजून जायत आसा. कोंकणी भाशेंत जे शब्द वापरतात ते प्रोटो ऑस्ट्रालॉईड जेन्ना भारतांत आयले तेन्ना तांचे बरोबर घडये गोंयांत पवले आसत अशें सुनीतिकुमार चॅटर्जी भाषाशास्त्रज्ञ हांणीं दाखोवन दिलां.[१३३] पुर्तुगेज राजवटींत धर्मछळ जावन किरिस्तांव धर्म गोंयांत येवचे आदीं गोंयांत हिन्दू आनी मुसलमान ह्या दोन धर्मांचें वर्चस्व आसलें.[१३४]

## कोंकणी निबंधांतली गोंयची अस्मिताय

अस्मितायेचें खरें अस्तित्व आसता थंय रावतल्या लोकांतल्यान, तांच्या वागणूकेंतल्यान. त्या वाठारांत रावतल्या लोकांच्या धंद्यांतल्यान तांच्या खाणा जेवणांतल्यान. हीच अस्मिताय हांगा रावतल्या लोकां मदें नदरेक येता. कोंकणी निबंधकारांनी गोंयच्या अस्मितायेची दखल निबंधांतल्यान मांडपाचो यत्न केला. गोंयचो पारंपारीक धंदो वा व्यवसाय जीं मनशां राखून दवरतात तीं गोंयच्या अस्मितायेचीं खरीं प्रतीकां आसात. देखीक गोंयची नुस्तेकान्न, रेंदेर, पदेर, रायबारी, शेट, मडवळ, घरचाकर, म्हालो, दोतोर, इंजनेर आनी प्रोफेसर.[१३५] ह्या सगल्यांचेर नदर मारल्या उपरांत गोंयची खरी आनी नीज संस्कृताय नुस्तेकान्न, रेंदेर, पदेर, रायबारी, शेट, मडवळ, घरचाकर, म्हालो हातूंतल्यान जाणवता. जयंती नायक प्रमाण कोंकणी समाजाची अस्मिताय जर आज जिवी आसा तर ती कोंकणी संस्कृतायेच्या वेगवेगळ्या माध्यमांक लागून जिवी आसा. हातूंत गितां, काणयो, म्हणी, उमाणीं, सारको मौखीक लोकवेद, अळंकार शिंरगार, मुस्तायकी बांदावळी, शिल्पां विरगळां सारको भौतीक लोकवेद, नाच, नाटकां, खेळ सारको सादरीकरणाचो लोकवेद, तशोच साबार चाली रिती आनी परंपरांचो आस्पाव आसा. कोंकणी मनशान फाटल्या शेंकड्यानी

वर्सासाकून संस्कृतायेच्या ह्या विविध माध्यमांचो सांबाळ केला आनी तेवरवीं आपले कोंकणी अस्मितायेचें जतन केलां.[१३६] लक्ष्मणराव सरदेसायांच्या खबरी कांय वर्माच्यो कांय कर्माच्यो ह्या निबंध संग्रहांत "भगत" ह्या निबंधांत पुराय गोंयची अस्मिताय उबी रावता. भगत हो गोंयचो असो मनीस जो देव देवसपण करता पूण तो भट न्हय. तो तुमकां देवाची जाणीव करपाक खंयय म्हळ्यार तुमी आसा थंय पावता. देवाक सांगणे हे बेस बरें करतात. तेच तरेन गोंयकाराक कसलें बरें काम करपाक जाय जाल्यार देवाक प्रसाद लावपाची संवय आसा. कोणाचें लग्न, कसलो धंदो करतलो जाल्यार, भुरग्याक जोर आयलो जाल्यार अशे तरेच्या दुखण्याक हे देवळाचे भगत प्रसाद लायतात आनी त्या मनशाक देवाचो प्रसाद म्हण फूल पाकळी दितात. हे भगत गोंयच्या बेताळ रवळनाथ ह्या देवळांनी नदरेक येता. भगत पळोवपाक भट दिसता पूण तो भट नासता. भगत हो असो आसता देखीक -"भगत देवा कडेन इश्टाभशेन उलयता, कळवळ्यान उलयता. तुमचें काळीज विरगळटा. मागीर तो तुमकां तीर्थ प्रसाद दिता."[१३७] भगत हें अशें पात्र जें गोंयाच्या समाजांत आनी खास करून कोंकणी समाजांत चड करून दिसून येता.

"सैम-सांगात" कमला देवी राव देशपांडे हांचो निबंध संग्रह. ह्या निबंध संग्रहांत पुराय गोंयूच दोळ्यां मुखार उबें रावता. इतली खोल गोंयची दखल ह्या निबंध संग्रहांत घेतल्या. देखीक- माड : कल्परूख, आंबो, पणस, माडी, केळ, भिरण्ड (भिरण) काज, कोंडो, गोंयचीं फळां आनी तातुंतलीं पुश्टिक सत्वां तिगोवन दवरचेलीं जाण्टेल्यांलीं खाणां हो निबंध तर नीज गोंयकारपण दाखोवन दिता. माड ह्या निबंधांत गोंयकारां खातीर माड कितलो मोलाचो आसा तें ह्या निबंधांत दिसता. गोंयच्या लोकांनी माडाचे कशे तरेन उपयोग आपल्या जिणेंत केल्यात तेंय दिसून येता. माडा बगर गोंयकार आपली जीण सारूंक शकना. कित्याक तर गोंयच्या लोकांक माडाची चडांत चड गरज आसता. खावपाक, जेवपाक आनी न्हिदपाक गोंयच्या लोकांक माड उपकारी पडटा. धर्मीक कार्यांत लेगीत माडाचो उपयोग आसा. गोंयचो एकूय असो वाठार दिसचो ना जंय माड ना. गोंयांत वचत थंय माड दिसतात. ह्या माडा खातीर रेंदेराचें म्हत्व गोंयांत तितलेंच आसा. माड आसा थंय रेंदेर दिसता. रेंदेर ही गोंयची अस्मिताय आनी संस्कृतीचें पात्र आसा. ह्या रेदेंरा खातीर गोंयांक वेगळें अस्तित्व आशिल्ल्याचें जाणवता. आंबो हो फळांचो राजा. आंबो ह्या निबंधांत गोंयांत जातल्या आंब्यां विशीं म्हायती सांगपाचो यत्न लेखकान केला. गोंयांत डिसेंबर जानेवारी म्हयन्यांत आंबो फूलता. आंबो गोंयच्या लोकांखातीर कितलो म्हत्वाचो तें सांगतना हिन्दू लोकांमदीं आंब्याचें पान खूब श्रेश्ट आसा.

देव देवसपणा खातीर आंब्याचेंच पान जाय पडटा. गोंयांत कितले प्रकारचे आंबे जातात तें पळोवया. देखीक आमच्या गोंयांत तरे तरेच्या जातींचे आंबे जातात. तातुंतल्यो कांय जाती म्हणल्यार मानकुराद, आफोंस, फेर्नादीस, साश्टी मुसराद, बार्देशी मुसराद, अखणो, अखणो मालदेस, पोकळो मालदेस, कुलास, करेल, शाव्हियेर, साक्रितीन, टांक, बाबयो आनी पापेल अश्यो गोंयांतल्या आंब्यांच्यो जाती सांगल्यात.[१३८] पणस ह्या निबंधांत त्या झाडा विशीं बरयतना आमच्या गोंयांत आमकां जळीं मळीं पणसांचीं झांडां दिश्टी पडटात. पणसाच्या झाडांक पणस अशें म्हणटात.[१३९] हो रुख म्हणल्यार आमचो मनीस कुळयेचो वाड वडीलच जावन आसा. आमच्या जाणटेल्यांनी शंबर वर्सां आदीं हे रुख रोवन दवरुन, त्या रुखांवरीं आयजवेर आमचेर आपले मायेची सावळी घाल्ली आसा.[१४०] फूडें येता तो माडी हो निबंध. गोंयांत माडयेचें म्हत्व कितें आसा तें ह्या निबंधांतल्यान समजून घेवंया. कसलेंय देवधर्माचें काम करतना आपलें काम तुवें केल्यार जाता वा तें करचें अशें म्हळ्ळी परवानगी दिवपाक, मंत्रघोशांत पवित्र केल्ली सुपारी येजमान ब्राह्मणाच्या म्हणल्यार पुजा-याच्या (भटजीच्या) हातार उदक घेवन सोडटा. हाचोच अर्थ इंग्रजी उतरांतल्यान पॉवर ऑफ ॲटर्नी दिवप म्हणल्यार आपले वतीन काम करपाचो दुस-याक हक्क दिवप, अधिकार दिवप, हाचे भायर सगलें देवकृत्य करता आसताना वा कोणाचोय भौवमान करपाचो आसतना तेन्ना, विडो दिवपाची रीत आसता.[१४१] केळ ह्या निबंधांत अशें दिसून येता. गोंयांत जायत्या देवळांनी देवांक केळीं पुजा बांदपाची रित आसा. केळीं पुजा म्हणल्यार मारुन उडयल्ले केळीचे गबे हाडून देवळाचे गर्भकुडीच्या दारापासून चौकाच्या दारामेरेन सोबीत सुंदर सजयल्ली आरास[१४२] भिरण्ड ह्या निबंधांत भिरण्डा विशीं सागताना गोंयकार लोक सदच्या जेवणांत भिण्डांची कडी करून खातातच.[१४३] काजू ह्या निबंधांत गोंयांत खंयच्याय वाठारांत तुमी भोंवात काजुच्या झाडाचें आनी गोंयचें आगळें वेगळें नातें तुमचे नदरेंत भरतलें. गोंयचे भुंयेर दोंगरांनी जांव, रानां वनांनी, भाटांनी, कुळागरांनी, पोरसांनी, न्हंयांच्या देगांनी, मिनाचे मातयेर आनी दर्यावेळेवयल्या रेंवट वाठारांनी लेगीत, काजुचीं झाडां दिश्टी पडटात. जशें एके बायलमनशेक आपलें कुळार, म्हणल्यार आपल्या आवय बापायलें घर प्रिय आसता आनी त्या घराचो कोनशान कोनसो तिका जीव काय प्राण जावन आसता, तशें काजीक गोंयची हवा आनी गोंयचे भुंयेचो कोनसो जीव काय प्राण जावन आसा.[१४४] गोंयांत कसली वनस्पत जाता तें लेगीत ह्या निबंध संग्रहांत सांगिल्याचे दिसून येता. गोंयचो समाज ही सगळी वनस्पत रोयता आनी खाता हातूंतल्यान गोंयची अस्मिताय नदरेक येता.

चंद्रकात केणी हांचो "गोंय आनी गोंयकार" ह्या निबंध संग्रहांतलो एक प्रसंग. लेखक जेन्ना गोंयकारांक सोदता तेदे वेळार लेखकाची अवतिकाय पळोवपा सारकी आसा. "तो सरदारजी सांगतालो ती खबर खरी. कसलो तरी धंदो तो करतालो. पणजे लागसार रावता. आठ धा वर्सां जातलीं तो गोंयांत रावता. तो गोंयचो मतदार. कायद्यान तो गोंयकार पूण नेपाळाक आसतना हांव ज्या गोंयकाराक सोदतालों तो न्हय आसलो." [१४५] नीज गोंयकार सोदल्यार लेगीत कमीच. कित्याक तर गोंयचो समाज बदल्ला. खरो गोंयकार खंय तरी गोंयांत शेणिल्ल्याचें दिसून येता. खरो गोंयकार कोण ताची जाणीव ह्या वेळार लेखक करुन दितात." कोंकणी भास उलोवंक जाणा आशिल्लो मनीस मेळ्ळो तरी आमकां तो गोंयकार दिसना आनी कोंकणी भास येना असो लेगीत वंशान गोंयकार आशिल्लो मनीस मेळ्ळयार आमकां आपलो मनीस मेळिल्ल्याची खोस भोगता."[१४६] लेखकाक खरो गोंयकार दिसता तो गोंयच्या अस्मितायेची जाणीव आशिल्लो गोंयकार. चंद्रकांत केणी हांचो "गोंय आनी गोंयकार" ह्या संग्रहांत गोंयकारा खातीर बाकिबाकान कवन केल्लें ताची देख लेखक निबंधांत दिता. "नुस्तें आसल्यार गोंयकार वीर, नुस्तें नासल्यार गोंयकार व्हीर".[१४७] वयर दिल्ल्या कवना वेल्यान गोंयकारक नुस्तें कितलें आवडीचें तें समजता. तेच तरेन गोंयकार नुस्त्या बगर आपली जीण सारूंक शकनात हाचेर लेगीत लेखक लक्ष ओडटा. अशे तरेच्या बाकिबाबाच्या कवनाचो उगडास करून गोंयच्या समाजाची अस्मिताय आनी गोंयच्या समाजाचें अस्तित्व नुसत्या बगर ना हें नदरेक येता.

"बिंबां पडबिम्बां" ह्या पुस्तकांत चंद्रकांत केणी ते फिरंगी, ते उंडे![१४८] ह्या निबंधांत गोंय कशें आशिल्लें आनी आतां कशें बदल्लां तें पळोवपाक मेळटा. हांगाच्या लोकांच्यो खावपा जेवपाच्यो पद्धती बदल्ल्यात. गोंयांत आतां चडशे कडेन उडपी जेवण मेळपाक लागला. पूण गोंयचें नीजपण गोंयच्याच जेवणांत आसा. त्या जेवणाची याद काडून लेखक निबंधांत म्हणटात. "गोंयच्या जेवणाची! याद काडल्यार ताच्या तोंडाक उदक सुटता. माल्टीभर पेज, सुक्या बांगड्याचो कुडको तोंडाक लावन तो जेविल्लो. दोंणांतली आमली. दाव्या हातांत धरून बांगड्या हुमणान कालयिल्लें उकडें शीत पोटभर जेवपाची ताका उमेद आसली"[१४९] वयर सांगलां ते प्रमाण हे तरेचें जेवण फक्त नीज कोंकणी मनशागेर मेळटा. हें जेवण मेळणा हे खातीर लेखक खंत उक्तायतना दिसता. जयमाला दणायत, करबट, ह्या संग्रहांतल्यान "अशी आमची बाईबाय" ह्या

निबंधांत गोंयांत जातल्या उत्सवांची वळेरीच मेळटा. गोंयचें खाशेलपण म्हणल्यार गोंयच्या गांवांनी अशें एक पात्र आसता जें सगळ्या उत्सवांक मेळटा. देखीक "जात्रेच्या तेंपार एकय जात्रा चुकयनासतना भोंवपी कांय मनशां आसतात. आमची बाईबाय तांतलीच. कवळेंची पंचम आसुंदी, मंगेशींची जात्रा आसुंदी, म्हाड्डोळचो सांगड आसुंदी, वा जांबावलेचो गुलाल आसुंदी, थंय बाईबाय ना अशें केन्नाच जावचेलें ना."[१५०] बाईबाय हें गोंयच्या समाजांतलें पात्र. हे तरेचीं पात्रां समाजापासत म्हत्वाचीं आसतात. ह्या पात्रांतल्यान लेखकान दाखोवन दिवपाचो यत्न केला. गोंयकार नुस्तें खातात पूण ह्या नुस्त्यांत लेगीत रांदपाचे कितले वेगळे प्रकार आसात तें लेखीकेन बेस बरें सांगलां. "बांगड्यांक ताल्ल्यांक पेडव्यांक, पेडींक तेंफळ जाय- तातूंत जिवें तेंफळ पडल्यार बांगड्यांचें सुकें धबधबीत कितें लागता म्हणून सांगूं? वर्णुपाक उतर मेळना. हाचे उरफाटें, तिस-यो, सुंगटां, कालवां वा विस्वण, रांवस मुड्डशी, शेंवटे असल्या नुसत्याक कांदोच जाय. हुमण करतनाय सादें वांटप, मागीर रोस गुळीचें हुमण अशेय तरेकवार प्रकार ... बांगड्या तेंफळांचें मेतकूट खरें. पूण बांगड्याची उड्डमेथी खाल्यार आठ दीस हाताचो वास वचपाक ना वा जिबेची रूच हालपाक ना."[१५१] अशे तरेचें नुस्त्याचे वेगवेगळे प्रकारांतल्यान लेखीकेन गोंयचें नीजपण निबंधांत देखी दिवन दाखयलां.

गोंयकाराक जेवणाचेर कांयच ना जाल्यार रोकडोच खा-याचो उगडास येता. ह्या खा-याची व्हडवीक लेखीका कशे तरेन सांगता ती पळोवया. "खारें म्हणजे मीठ मारून सुकयल्लें नुस्तें. पावसा पुरुमेन्ताक, ताल्ले पेडवे, मोरी, भोपशें अशें जायतें खारें डबे भरून दवरतात.  बाजारांत वा पुरुमेन्ती फेस्ताक घेवन दवरतात. आनी पावसांत जेन्ना मागीर केन्ना ते बांगडे न्हाणये रान्नींत वतात, केन्ना तव्यार परतून तांची किसमूर जाता जाल्यार केन्नाकेन्नाय सुकी आमली बी घालून ताचें सुकें जाता. केन्ना गालम्याची किसमूर, सुकें वा पेडव्यांचें धबधबीत जाता. केन्ना हुमणांत बांगडो पडटा, केन्ना सुंगटां पडटात जाल्यार केन्ना मोरी धाडावन घालतात."[१५२] अशें तरेन सुक्या खा-याच्यो वेगवेगळयो रांदपाच्यो तरा सांगपाचो यत्न लेखीकेन निबंधांत केला. दीपा मुरकुंडेच्या, ‘‘भौरंगी जीण’’ ह्या संग्रहांत गोंयचो समाज नुस्त्या खातीर कितलो पिसो हें जाणून घेवपाखातीर ही देख पळोवया "एक दीस एके इश्टीणीगेर गेल्लें. आदल्याच दीस पुताचें लग्न जाल्लें. सून पूत ते रातचे ट्रेनीन हनिमुनाक वचचेलीं आसलीं. हांव गेल्लें तेन्ना मुस्तायकी भरपाचो बोवाळ चलतालो. इतल्यांन पुतान म्हळें, 'आई' थोडे खारे बांगडे बांदून दी आं." [१५३] म्हणल्यार हनिमुनाक वतना

लेगीत गोंयच्या मनशाक खारें जाय पडटा. खारें तर हनिमुनाच्या बोवाळांत कोणी मनीस विसरून वचत पूण हनिमुनाक वतना खा-याक चड म्हत्व मेळिल्लें लेखीकेन दाखोवन दिलां.

सुधा वसंत लवंदे हांच्या ओंवळां ह्या संग्रहांतलो "तुस्तीक आनी निंदेक जाय" ह्या निबंधांत गोंयकारांच्या स्वभावा विशीं जाणून घेवंया. अमेरिकेंत चडशे लोक आनी घरचीं सगळींच व्यस्त आसतात हें ह्या निबंधांत दिसून येता. कित्याक तर तांचें राहणीमान त्याच तरेचें आसा. पूण गोंयांत कोणी बरो ना वा कोणाक कितें आपल्या मनांतलें सांगचें जाल्यार आमी सांगूंक शकतात. देखीक "अमेरिकेची तुस्त आनी गोंयची निंदा आमी आयकली. आतां आमकां एक सांग, तुवें आमकां, ह्या रस्त्याकुशीक उबीं करून चाळीस मिनटां ह्यो गजाली खावयल्यो. अशो गजाली, खावोवपाक तुका अमेरिकेंत एक तरी मनीस मेळटा आशिल्लो? काय हें सगळें तुगेलें आयकुपाचें मनीसपण आमचें, गोंयकारांचेंच?"[१५४] ह्या देखी वयल्यान अशे तरेन जें मनीसपण अमेरिकेंत दिसना तें गोंयांत आनी गोंयच्या समाजांत दिसता.

कमलाकर म्हाळशी हांचो "ऋतुचक्र" हो निबंध संग्रह पुराय गोंयच्या संस्कृतायेक ओंपला. कित्याक तर हो पुराय निबंध संग्रह गोमंतसंस्कृतीमय असो दिसता. तांचो कालचक्रा भोंवतणें घुंवतना चैत्र.... फाल्गुन हो निबंध पळोवंया. ह्या निबंधांत गोंयांत खंयच्या म्हयन्यांत खंयचो उत्सव वा जात्रा जाता ताची पुराय म्हायती विश्लेशणा सयत आसा. देखीक हें निबंधांतलें अवतरण "अश्टमीक फातर्पेची प्रसिद्ध जात्रा जाता, जाल्यार चतुर्दशीक बोडगेश्वराची जात्रा जाता. पौष शुद्ध पुनवेक माशेलांतली नामनेची 'मान्नी पुनंव' ही जात्रा जाता, जाल्यार काणकोणच्या श्री मल्लिकार्जुन देवस्थानांत 'म्हालजे पुनव' नांवान अवतार पुरसाच्या खांबांचो (तरंगांचो) पयलो अवतार जाता, कौल जाता. 'मान्नी पुनंव' वा 'म्हालजे पुनव' हीं उतरां मालिनी ह्या उतरांतल्यान आयल्यांत जावंक जाय. मालिनी ही शाक्तांची एक मुखेल देवता"[१५५] अशे तरेन ह्या अवतरणा वेल्यान जायतें विश्लेशण गोंयांविशीं जाल्लें दिसून येता. गोंयचे फामाद अशे उत्सव म्हणल्यार मडगांवची दिंडी आनी जांबावलेचो गुलालाची दखल लेगीत लेखकान आपल्या लिखाणांत घेतल्या.

कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी "ऋतुचक्र" ह्या निबंध संग्रहांत, गोंयचो संजांव हो व्हडा दबाज्याचो उत्सव खास करून कोंकणी समाज संजांव दिसा सर्ती आनी कार्यावळी आयोजीत करता. संजांव गोंयांत कसो

पावलो आनी ताच्या फाटली आख्यायिका सं जांव घुं वता.... ह्या निबंधांत पळोवपाक मेळाटा. "मुळांतलो सेंट जॉन बाप्तीस्ट 'सां जुआंव जालो, सां जुआंवाचो सुजांव जालो आनी उपरांत कोंकणी ताका 'संजांव' केलो. पुर्तुगेज आनी भारत मेळून सेंट जॉनाक भारतांत आनी चड करून गोंयांत मेळिल्लें 'संजांव' चें रूप आतां आमचेंच जावन गेलां."[१५६] अशे तरेन गोंय समाजाच्या संदर्भांत तांच्या परबां विशीं लेखकान बरप केलां. तेच तरेन गोंयांत आशिल्लें ताचें खाशेलपण सांगपाचो यत्न केला.

चित्रा कुडचडकार हांच्या "मनाचो हारसो" ह्या निबंध संग्रहांत श्रावण म्हयन्यांत गोंयांत खाशेलें वेगळेंपण आसता. ह्या दिसांनी गोंयचो सैम सगळो पाचवो चार जावन तृप्त जाल्लो पळोवपाक मेळटा. ह्या दिसांनी "गोंयांत बायलांक श्रावणाची कितली लक्कुबाय! सरकार वनमहोत्सव मनयता. पूण गोंयांत बायलो श्रावण म्हयन्यांत दर आयताराक घरान घर सैमाची पूजा करतात. आयतार पूजप म्हळयार वनस्पतीचीच पूजा करप. दुर्वांच्या रुपान तणाची, पानांची आनी फुलांची आनी ते पुजेच्या नांवान घरांत गोडशें."[१५७]

अशे तरेन गोंयांत सैमाची पूजा करतात हें ह्या निबंधांत दाखयलां.

जयंती नायक हांच्या "लोकमंथन" ह्या पुस्तकांत पूराय गोंयच्या संस्कृतायेचें आनी गोंयच्या लोकांचें दर्शन जाता. लोकवेदाचेर आदारीत आशिल्ले निबंध ह्या निबंध संग्रहांत आसात. गोंयांतलें राहणीमान जरी पाश्चिमी संस्कृतायेचेर आदारून आसलें जाल्यार लेगीत हांगाच्या लोकांनी गोंयची संस्कृताय दिसून येता. "गोंयच्या गांवांनी आजुनय देवाविशींचो भावार्थ आनी धर्माविशींचो आदर पळोवंक मेळटा."[१५८] तो लोकमंथन सारक्या निबंध संग्रहांत. जयंती नायक हांच्या "लोकमंथन" ह्या पुस्तकांत गोंयकार आनी खास करून कोंकणी मनशांत आपलें अशें खाशेलेंपण आसता. "कोंकणी मनशाची जगपाची एक विशिश्ट पद्धत आसा. ताचे विधीसंस्कार, सण, परबो, व्रतां उत्सव, जेवण  खाण, भेस अळंकार, जात्रा उत्सव, देव दैवतां बी हेर वाठांरांतल्या लोकांपरस वेगळीं आसात. आगळीं वेगळीं आसात. ताच्या ह्या आगळेपणाक लागून तो 'कोंकणी मनीस' म्हण संवसाराच्या खंयच्याय तोंकार गेल्यार वळखूंक मेळटा."[१५९] वयर दिल्ल्या देखींतल्यान कोंकणी मनशाचें वेगळेंपण दिसता. तेच तरेन जयंतीबायन कोंकणी संस्कृतायेचीं प्रतीकां दाखोवन दिल्यांत. हाचे वयल्यान कोंकणी मनशाचें अस्तीत्व थारता. "हातूंत केळ हें पातिव्रत्याचें, रुमड हें

पौरूष्याचें, गाय हें वात्सल्याचें, हळद हें सृजनाचें, साळक हें समृद्धीचें जाल्यार आंबो हें शुभ प्रतीक म्हण मेळटा."[१६०] ह्या सगळ्या प्रतीकांचो वापर गोंयचो समाज गोंयच्या संस्कृतींत करता. हातूंतल्यान गोंयच्या समाजाचीं नीज रूपां जाणवतात. जयमालाबाय "आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं" ह्या निबंधांत गोंयच्या नाल्लाची व्हडवीक सांगतात. नाल्लाक गोंयच्या लोक संस्कृतींत व्हड महत्व आसा. देखीक- "गोंयच्या धालांनी तर उतरा पावलाक नाल्ल, माड, माडयो, फोफळां हांचो आस्पाव आसा- "तांबड्या माडाचीं सोण्णां गे, तांबड्या माडाचीं सोण्णां" अशें आनी जायतें!"[१६१] गोंयच्या लोक संस्कृतींत नाल्लाचें व्हाड मोल लेखीकेन निबंधांत दाखयलां. जयमाला दणायत "आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं" ह्या संग्रहांत "माथेरान म्हळ्यार 'किस झाड की पत्ती"[१६२] म्हणिल्लो उल्लेख मेळटा म्हळ्यार गोंयांत जल्म घेतिल्ल्या जयमालाबायक गोंयचो कितलो मोग आसा तो कळटा. माथेरान कितलेंय सुंदर आसलें जाल्यार लेगीत माथेरान तें माथेरान आनी गोंय तें गोंय. गोंयचो मोग हो गोंयच्यान पयस रावतकच कळटा अशें लेखीकेच्या बरपांतल्यान समजता.

ह्या संग्रहांत जयमालाबाय गोंयाक "चम्पकसमृद्ध राज्या."[१६३] म्हटलां कित्याक तर गोंयांत तरां तरांची चांफी पळोवपाक मेळटात." धवीं चाफीं जालींच, ताज्याच भशेन आकारान पूण रंगान तांबडीं चाफीं, ते भायर सोनचाफीं, कुडचाफीं, कवठी चाफो भुंयचाफीं, नागचाफीं, पांचवीं चाफीं आनी शिवलींग चाफीं!"[१६४] अशे तरेन वेग वेगळी चाफीं गोंयांत मेळटात ताची व्हडवीक "फूल रे चांफ्या फूल रे चांफ्या खांद्यो भर!" ह्या निबंधांत सांगला. अ. ना. म्हांबरो हांचो निबंध संग्रह "कोंबो गेलो तारवार" ह्या निबंधांत "सूर्या म्हाका उठोंव नाका" हातूंत गोंयकार समाजांतल्या कोंकणी मनशाच्या वागणूकेचेर उजवाड घातला. देखीक - "गोंयांभायल्या शारांनी दुदवाले, पेपरवाले, बी फांत्यापारार दारार देंवचारशे उबे जातात आनी घरांतल्या लोकांक उठोवन घालतात. गोंयांत असलें घडना. दूदकार सांजेचो दूद हाडून दिता. तें तापोवन दवरल्यार दुस-या दिसा उपकारता. ऊंडे सकाळीं जाय, पूण तेय चड बेगीन नासल्यार जाता. आतां पेपर म्हणशात जाल्यार तो सबंद दीस वाचपाचो म्हणुनू गोंयांभायले पेपर हातांत पडले तरी गोंयचीं वर्तमानपत्रां त्या दिसा सांजचीं पासून मेळ्ळयार खूब जालेंशें दिसता"[१६५] अशे तरेचो निश्काम मनीस गोंयच्या समजांत मेळटा. हाचेर लेखकान निबंधांत उजवाड घालपाचो यत्न केला. लेखकान आपल्या बरपांतल्यान नीज कोंकणी

मनशाचो स्वभाव दाखोवपाचो यत्न केला. जयंती नायक हांच्या "लोकमंथन" ह्या पुस्तकांत गोंयच्या सगळ्या जातींत आनी धर्मानी तांचीं लोक गितां आसात. ताका आमी कोंकणी वाठारांतलीं लोकगितां म्हणूं येता. "चारूय कोंकणी वाठारांत अशें चित्र चित्रायिल्ल्यो होंवयो, लोकगितां, नाचगितां, विधिगितां, वावर-गितां लाल्लयो बी सांपडटात."[१६६] अशे तरेन लेखीकेन गोंयच्या लोक प्रकारांचेर उजवाड घातला.

## ३.५ राजकी परिवेश

गोंयच्या दर एका गांवांतली लागवड व्यवस्था, राखणे व्यवस्था, खर्च हें सगळें एकवटीत रितीन करताले. हेच एकवटीत पद्धतींतल्यान 'गांवकारी' आनी 'म्हाजनी' ह्यो संस्था अस्तित्वांत आयल्यो. पुर्तुगेज येवचे आदले समाजवेवस्थेंत 'म्हाजनी' आनी 'गांवकरी' (कोमुनिदादी) ह्यो दोन म्हत्वाच्यो संस्था आसल्यो. प्रत्येक गांवांत ह्यो दोन संस्था सामको दाट संबंध दवरून चलताल्यो. 'गांवकरी' ही गांव वसोवपी गांवकारांचीं शेतां आनी समाजकल्याण विशींच्या भौशीक हिताची गरज भागोवपी संस्था आसली तशीच 'म्हाजनी' ही देवस्थानाच्या संस्थापकांची धर्मीक संस्कृतीक गरज भागोवपी संस्था आसली. ह्या दोनीय संस्थांचें वांगडीपण कुटुंबांतल्या जण एका दादल्याक वयांत आपले बरोबर हक्कान मेळटालें. तशेंच बापायच्या मरणा उपरांत वारशा हक्कानूय मेळटालें.[१६७] ह्या दोनूय संस्थांचो कारभार पळयल्यार हातूंतल्यान गोंयची राजकी घडणूक घडपाक लागली अशें नदरेक येता. गोंयची राज्यवेवस्था आनी घडामोडी ह्यो पुरातन काळा पासून चलत आयिल्ल्यो आसात. गोंयची राज्य वेवस्था समजप गरजेचें थारता. राज्यवेवस्थेंत सगळ्यांत ल्हान घटक म्हणल्यार ग्राम. सुमार एक गांव वा दोन तीन ल्हान गांव मेळून ग्राम तयार जाता. पूण शहरांत नगरशासन आसता. गांवच्या कारभाराचीं तत्वां नगर रचनेच्या तत्वांचेर आदारून आसतात. राष्ट्रकूटाच्या काळांत ग्रामकूट हो गांवाचो प्रमुख म्हण काम करतालो.[१६८] राष्ट्रकूट म्हणल्यार राजघराणें जें कन्नड भाशीक.[१६९] चालुक्य घराणे इ.स. ७५७ सोंपल्या उपरांत राष्ट्रकूट राजवंशाचो उदय जालो.[१७०] हाका आयच्या काळांत पंचायत म्हणटात. हातूंत गांवगाडो चालू आसता, देखीक गांवच्या उदकाची गरज, बांद बांदप, मजदूर घालप, देवस्थानाचो वेव्हार सांबाळप, गांवांत निवळसाण दवरप, शैक्षणिक संस्था चालू करप, अपंगांक आदार दिवप हीं कामां जातालीं. हाच्या भायर न्याय निवाडो जातालो. कोणाचीं झगडीं जाल्यांत जाल्यार तांची समजूत घालून दिवप. गांवचो लोक जाका पंच निवडून दितात तो मनीस हो

सगळो निवाडो करता. ग्राम सभा म्हणल्यार ल्हान राज्यां म्हणल्यार जाता. पूण पुर्तुगेजांच्या कांळांत हांचें स्वरूप बदलून तांकां सहकारी शेतांच्या सोसायटीचें स्वरूप दिलें. तांकां Comunidades म्हणटात वा Village Communes अशें म्हणटात. ग्रामसंस्थेचे रचनेप्रामाण गांवांत रावतल्या सगळ्या गांवच्या लोकांचो तातूंत समावेश नासता. फक्त ब्राह्मण, क्षत्रिय वा वैश्य ह्याच घराण्यांनी ह्यो ग्राम संस्था स्थापन केल्यो. त्याच घराण्यांचे दादले मनीस गांवकार म्हणून तातूंत भाग घेतात.[१७१] पूर्तुगेज गेल्या उपरांत, गोंयची राज्य वेवस्था गोंयाक जाय तशी चलनासली. गोंय दमण आनी दीव हांचेवांगडाच दादरा आनी नगरहवेलीचो सगळो कारभार राज्यापाल चलयताले. घटक राज्य जावन पयलीं हांगा दमण आनी दीव एक करून ३० मतदारसंघ आसले. मागीर घटक राज्य जाल्या उपरांत दमण आनी दीव वेगळे केल्या उपरांत गोंयच्या मतदारसंघांचो आंकडो ४० केलो. लोकसभेचे दोन मतदारसंघ जाल्यार राज्यसभेचो एक वांगडी वेंचपाचो हक्क गोंयांक आसा. गोंयात ११ तालुके आसात. गोंयांत दोन जिल्हे आसात. उत्तर आनी दक्षिण. हांकां जिल्होधिकारी आनी उपजिल्होधिकारी आसात. तालुक्यांचो कारभार मामलेदारांवरवीं चलता. शहरांनी नगरपालिका आसात, नगरपालिका प्रतिनिधी आसतात. गांवांत पंचायतींवरवीं गांवचो करभार चलता. राज्यकारभाराक आदार दिवपी गांवांतली म्हत्वाची संस्था म्हणल्यार कोमुनिदाद ही बरीच पोरनी संस्था आयज मेरेन तिचें अस्तित्व आसा. न्यायवेवस्था गोंयांत आसा. पोलीस केंद्रां आसात मुखेल केंद्र पणजे आसा. गोंयांत एक विधीमंडळ आसा. विधानसभा आसा. अशे तरेन गोंयची राज्य वेवस्था चलता.[१७२] हें सगळें पळयतकच गोंयचो राजकारभार जायतो पोन्नो आशिल्ल्याचें समजता. त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्य रिवारान भारतीय राष्ट्रीय काँग्रेसीकडेन संलग्न अशी गोवा काँग्रेस कमिटी स्थापन केल्ली आनी हे भाशेन पयलेच खेपेक भारताच्या राष्ट्रीय स्वातंत्र्य संग्रामाकडेन गोंयचें नातें जोडलें. तेदे वेळार त्रिश्तांव ब्रागांझ कुन्य रिवार हांच्यानी पुर्तूगेजांआड एक क्रांतीकारी पावल घातलें. मागीर कुन्यांपासून प्रेरणा घेवन, गोंयचे सुटकेखातीर प्रत्यक्ष संघर्षाक तयार जावपी लोक तयार जाले.[१७३] इतलेंच न्हय तर पुर्तुगेजां तेपार गोंयांत जेन्ना बाटाबाटी जाल्यो ताचेर ह्या निबंधात उजवाड घातला. "गोंयांत जेन्ना बाटाबाटी सुरू जाल्यो तेन्ना आमगेले देव फाटींफूडें पळेनासतना जागो मेळटा थंय, वाट मेळटा तशे पळत सुटले; आमगेलेच देव ते!"[१७४] हाचे वेल्यान तेदे वेळावेल्या कोंकणी आनी गोंयच्या समाजाची परिस्थिती समजता. पुर्तुगेज आपल्याक बाटयत ह्या भंयान गोंयचो समाज आपल्याक मेळत त्या वाठांरांत पळून गेलो. हे खातीर महाराश्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ सारक्या वाठांरांनी गोंयचो कोंकणी समाज शिंपडून पडला.

दत्ताराम सुखठणकार हांच्या मान्नी पुनंव, तेच तरेन "गोंयचो देमांद" ह्या निबंधांत पुर्तुगेजांचो प्रभाव गोंयचेर दिसता. कित्याक तर देमांद हो पुर्तुगेज उतरावळींतलो शब्द. देमांद ह्या शब्दाचो गोंयांत लोक कायद्या विशीं उलयतना वा कायद्यान झूजतना संदर्भ आसा. देमांद ह्या शब्दाचो गोंयांत कितलो प्रभाव आसा तो निबंधांत पळोवपाक मेळटा. कायद्याच्या नदरेन गोंयांत देमांदाक म्हत्व आसा. देमांदाचीं वेग वेगळीं रूपां गोंयांत पळोवपाक मेळटात. देमांद म्हणल्यार "सेलाद फोलीवैल्या रक्रमेंतान सुरू जाल्ल्या ह्या यज्ञांत इस्क्रिवांव, ताबेलियांव, एजेकुसांव, इंतिमसांव, प्रोकुरसांव, खुस्तमुल्त, प्रेपार, देपोस्त, आरेस्त"[१७५] अशे तरेन राजकी नदरेन कोंकणी समाजाक देमांद आनी कायद्याची भास पूर्तूगेजांकडल्यान शिकिल्ल्याचें नदरेक येता.

रामकृष्ण जुवारकार हांच्या "मंत्राक्षता" निबंध संग्रहांत, गोंयच्या राजकारणां विशींचे तांचे विचार पळोवया. शिक्षण आनी राजकारणाचेर ही एक टिकाच म्हणूंक जाता. गोंयांत पंचायतींतल्या सरपंचांक आनी विद्यांमंदिरांतल्या सरांक आमदारकीच्या दाराभितर प्रवेश करुंक जितलीं सोपेपणां आसात तीं हेरांक नात. कांय सर आनी सरपंच सर्रास राजकारणांतूच आसतात. एक आदेसाक शिक्षण आनी दुस-या आदेसाक राजकारण अशे दिसवडे करपीय जायते शिक्षक आसात. सरपंच दीस रात राजकर्त्यांच्या संपर्कांत आसलेल्यान तांकां आमदार दारांभितर कितें करतात ताचें गिन्यान आसता. सरपंचाक सगल्या पक्षांचीं दारां उगतीं आसलेल्यान पक्षांतरावेळार ह्या दारांतल्या त्या दारांत कशें वच्चें ताचें प्रक्षिक्षणूय मेळिल्लें आसता. हे सरपंच आनी हे शिक्षक सरसर करुन वयर सरुंक आमदाराचे मंत्रीय रोकडेच जातात.[१७६] सरपंच आमदार आनी मंत्री कशे जातात आनी ताचे फाटली पक्ष बदलपाची गुडलिसांव कशे तरेन आसात तें हे तरेची देख पळयल्यार गोंयचे राजकारण समजता. बल्कावांची अस्मिताय पळोवची जाल्यार ती गोंयांत पळोवची. बल्कांवांवेल्या गजालींक विशय जायते. तांकां शिम मेर ना. तरी त्या खबरांक इल्ली उंचाय आसता. अती उणाक खबरो बल्कावांच्या घरंदाजपणाक आड येतात. खबरांक बल्कांवांइतली तरी उंचाय जाय. ही मर्यादा मानली जाल्यार विशय मात तरातरांचे. घराब्यांच्यो गजाली, घरंदाज गजाली, घराण्याच्यो गजाली, गांवच्यो गजाली, गोंयकारपणाच्यो गजाली, गोंयकारांच्यो गजाली, नासांवाच्यो गजाली, रझांवाच्यो गजाली, देवस्पणाच्यो गजाली, मनीसपणाच्यो गजाली, चोरयेच्यो गजाली, दरोड्यांच्यो गजाली, गडबड घोटाळयांच्यो गजाली, दरोड्यांच्यो गजाली, बारीकसाणीच्यो गजाली, शिटुकसाणीच्यो गजाली, अशे गजालींचेर प्रकार जायते. बल्कांवार वांट्या-वांट्यांनी ह्यो गजाली जायत आसतात.[१७७] अशा ह्या तरातरांच्या गजालिंचेर गोंयच्या समाजाचें गोंयकारपणाचें खाशेलेंपण थारता.

कोंबो गेलो तारवार हो अरविंद नारायण म्हांबरो हांचो निबंध संग्रह. गोंयांत पुर्तुगेजांक धांवडोवपाक जायतीं बंडां जातालीं. तेदेवेळार गोंयांत कितें परिस्थिती आशिल्लीं त्या परिस्थितीचेर उजवाड घालपाक कोंबो गेलो तारवार हातूंतली ही देख पळोवंया- आतां आमी मातशे मुखार वचूंया. १९४६ त डॉ. लोहियांनी गोंयांत चळवळ सुरू केली. लक्ष्मणराव हे चळवळींत पडले. तांणी पयली सभा फोंड्यां घेतली. उपरांत हेरकडेन तशोच सभा घेतल्यो. सत्याग्रह केले. हे चळवळींत नॅशनल काँग्रेस ऑफ गोवा ची थापणूक जाली. हो पक्ष उबारपांत आनी ताचो वावर फुडें व्हरपांत लक्ष्मणरावांनी पुरूषोत्तम काकोडकार, डॉ. रामा हेगडे, आनी तांच्या हेर सांगात्यांबरोबर खूब वांटो घेतलो.[१७८] अशे तरेन गोंयची चळवळ मुखार व्हरुन गोंय मुक्त करपाक गोंयच्या पूतांनी सत्याग्रहाच्या होमकुंडांत उडी घेतली.

कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी "ऋतुचक्र" ह्या निबंध संग्रहांत, गोंय राज्याचो आनी कोंकणी भाशेचो इतिहास "कालचक्र भोंवतणी घुंवता जानेवारी .... डिसेंबर" ह्या निबंधांत दिसून येता. हो निबंध म्हणल्यार पुराय गोंयचो इतिहास आसा. गोंयांत १९ डिसेंबर १९६१ ह्या दिसाचो, ओपिनियन पोल ते ३० मे १९८७ गोंय घटक राज्य जालें हाची पूराय दखल लेखकान ह्या निबंधांत घेतल्या. देखीक - "८ जुलय हो दीस कोंकणी समाजाच्या इतिहासांतलो काळजार कोरांतून दवरपाचो दीस. ह्या दिसा १९३९ वर्सा कारवारांत भौ. माधव मंजुनाथ शणै शानभाग ह्या म्हापुरसान पयली कोंकणी परिशद घडोवन हाडली. जैतवंत रितीन हे परिशदेची परंपरा आयजूय आमचे मर्दीं चालू आसा."[१७९] अशे तरेचे उगडास आनी गोंयच्या समाजा संदर्भांत ज्यो घडणूको जाल्यात तांचो आसपाव लेखकान ह्या निबंधांत केला.

## ३.६ अर्थीक परिवेश

विजापुरचो सुलतान अब्दूल मुजाफर इसूफ आदिलशहा सवाई हांच्या काळांत गोंय शार वेपाराची आनी उद्देगाची एक मुखेल पेठ आशिल्ली.[१८०] थंय अजियांतल्यान वेगवेगळे वेपारी वेपाराक येताले आनी थंयचे राजा गोंयचे अदिलशाही वांगडा इश्टागतीन चलताले. मक्केक वेतल्या मुसलमानांचीं तारवां गोंयच्या बंदरांतल्यान भायर सरतालीं.[१८१] सन १४९० वर्सा नरसिंहरायान आपल्या वंशाची स्थापना केली. ह्या वंशांतल्या कृष्णदेवराय हाणें अदिलशाह कडल्यान रायचूर, मुद्गल सारके वाठार जिखून घेतले. ताचो सगळो वेपार होनावर आनी भटकळच्या दोनूय बंदरांतल्यान चलतालो. ताच्या सैन्याक लागपी घोडे, जे

ताच्या सैन्याचें मुखेल आंग आसलें, ते घोडे तो इराण अरबस्तानांतल्यान हाडटालो.[१८२] गोंयचे सगळे घटक जाणून घेतना गोंयचें अर्थशास्त्र कितें आसलें तें पळोवप गरजेचें थारता. गोंयांत ज्यो सत्ता आयल्यो त्यो गोंयच्या फायद्या खातीर न्हय जाल्यार गोंय तांच्या फायद्याखातीर पडचें हाकालागून. पूर्तुगेज गोंयांत आयले ते राजकी सत्ते खातीर वा झुजाखातीर न्हय. ते आयले गोंयांत मेळपी वेवसायीक फायद्याखातीर. कित्याक तर गोंयच्या बंदरांतल्यान अरेबिया, पर्शिया वा सिलोन हांची येरादारी जाताली. घोड्यांच्या वेपारांतल्यान पोरन्या गोंयाक फायदो जातालो. गोंयच्या लोकांचो धंदो शेताचो आसलो. हांगासरले लोक पिकयता तें तांकां पावनासलें. पूण पूर्तुगेज मात गांवच्या लोकांवयले कर दिसान दीस वाडयताले. नुस्तें, माड आनी रानांत जातल्या पिकावळीक लागून गोंयच्या लोकांचें पोट चलतालें. गोंयचेर सामको भिरांकूळ दुश्काळ आयलो तो इ. स. १५५३, १५७० आनी १६८२ ह्या वर्सांनी लोकांची जायती पिडणूक जाली, ह्याच कारणाक लागून हांगासरले लोक गोंय सोडून दुस-या गांवांनी गेले. गोंयांत जे उद्येग करून लोक पोट भरतात ते अशे आसले. मेस्तकाम, भांगर, रूपें, लोखण काम, चामड्याचें काम, खोटले पांटले करप, कुंभार काम, आनी नुस्तें मारप हे गोंयांत मुखेल धंदे चलताले. हाका लागून गोंयची अर्थवेवस्था स्थिर आसली. पूर्तुगेजांनी हांगासरल्या लोकांची पिडणूक केली आसली जाल्यार लेगीत तांणी जहाजां आनी बोटी बांदपाच्या उद्येगाची उदरगत केली.[१८३] पूण तांचो मुखेल हेतू आसलो हांगासरल्या लोकांक त्रास करप आनी आपले आर्थिक फाटबळ घट करप.[१८४] १९६६ वर्सा गोंयची स्थिती अशी आशिल्ली. गोंयात ६४.७% लोकवस्थी शेताचेर आदारून आशिल्ली. ११.८% खाणीचेर आनी हेर बांधकाम धंद्याचेर आदारून. २६.५% हेर क्षेत्रांचेर आदारून आसले. तर बाकीचे लोक वेगवेगळे क्षेत्रांनी काम करताले, वा शेताक पोशक आसो वेवसाय करताले.[१८५] गोंयांत तेदेवेळार आयात जावपी म्हाल म्हणल्यार खावपाच्या घटकां भितरले तांदूळ, भात, गोड, साकर, कपडे आनी हेर चैनीच्यो वस्तू. तर गोंयांतल्यान निर्गत जावपी म्हत्वाचे घटक म्हणल्यार नाल्ल, मीठ, आंबे, सुपारी, नुस्तें, खोबरें, काजूच्यो बियो, अनसां, पूण साधारण आयातीचें आनी निर्गतीचें प्रमाण लक्षांत घेतल्यार तें प्रमाण गोंयाक लुकसाणीचेंच आसलें अशें दिसून येता. हांगा आनीक एक गजाल मतींत धरूंक जाय ती म्हणल्यार गोंयच्या ल्हान आकारमानाक लागून आसूं वा गोंयांत येवन वेपार करपी भायल्या वेपा-यांच्या अस्तित्वाक लागून आसूं, आयात निर्गतीचीं निमाणचीं सुत्रां चडशीं भायल्याच वेपा-यांच्या हातांत आसलीं.[१८६] प्रकाश तळवणेकार हांच्या गोंय आनी गोंयकारपण ह्या निबंध संग्रहांत हालींच्या काळांत गोंयच्या अर्थीक स्थितीचो अदमास लेखकान घेतला. गोंय हो ल्हान व्हड

दोंगरांचो प्रदेश. काजूच्या झांडांक हांगा फावो तें वातावरण आसा. काजू बियांच्या गराक भायल्या देसांनी खूब्ब मागणी आसा. तशेंच काजूंपासून काडटात तें हुर्राक आनी फेणी देशांत आनी देशाभायर लोकप्रिय आसा आनी ताका बरीच मागणी आसा. ह्याच काजूच्या उत्पन्नाक लागून गोंयांक विदेशी चलन मेळटा.[१८७] गोंय स्वतंत्रताये उपरांत अर्थीक दृश्टीन फायद्याखातीर गोंयांत पर्यटन केंद्रां उगडलीं.[१८८] दर्यादेगेच्या वाठारांनी आग्वाद आनी मुरगांव हे पठारी वाठार म्हत्वाचे आसले. सगळ्यांत चड म्हत्वाचें मुरगांव आसा ज्या खातीर गोंयांक अर्थीक आदार जाता.[१८९] चड करून पर्यटक ह्यो दर्यावेळो पळोवपा खातीर गोंयांत लोटून येतात. हातूंतल्यान गोंयाक कांय प्रमाणांत अर्थीक मदत जाता.[१९०]

## ३.७ धर्मीक परिवेश

पुर्तुगेजांनी गोंय जिखून सुमार तीन वर्सां जाल्ली त्या वेळार ते हांगा रावतल्या लोकांत तितलो त्रास करनासले. दिवाडे गांवचे देवूळ १५१५ वर्सा मोडून उडयलें. मुसलमानांची जी राजवट आशिल्ली ती पुर्तुगेजांनी काबार करून उडयली. दो. ज्युआंव हाणें गोंयच्या गव्हर्नराक हुकूम धाडले उपरांत पुर्तुगेजांनी गोंयचीं देवळां मोडपाक सुरवात केली. १५४१ वर्सा तिसवाडींतलीं सगळीं देवळां मोडून उडयलीं. त्या उपरांत १५४१ वर्सा सांत फॅ नांवाची सेमिनार तिसवाडींत स्थापन केली.[१९१] तिसवाडींतलो क्रिस्ती धर्म प्रसार दोमिनीकानुश लागीं सोंपयलो आनी बारदेस क्रिस्ती धर्मप्रसाराचें काम फ्रांसिस्कनां लागीं सोपयलें.[१९२] सुमार १५४३ वर्सा गोंयचीं सगळीं देवळां आनी मशिदी जमीनदोस्त केल्यो. १५४७ वर्सा पुर्तुगेज सरकारान क्रिस्ती लोकांक सोडून गोंयच्या हेर लोकांचेर बंधना घातलीं. तांकां सार्वजनीक जाग्यार वचप वर्ज्य आसलें. धर्मीक विधी आनी आचार पाळपाक लेगीत कडक बंदी आशिल्ली.[१९३] हाचे वयल्यान हिन्दू लोकांची कशे तरेन पिडणूक जाताली तें नदरेक येता. १५४८ वर्सा हिन्दूचीं सगळीं पुस्तकां पुर्तुगेजांनी जाळून उडयलीं. लोकांक क्रिस्ती धर्म स्वीकारपाक आमिश दाखोवपाक लागले. हाची देख म्हणल्यार १५४८ वर्सा गोवा बेटावयलो लुख नावाचो पंडीत सेंट पॉल चर्चींत बाटून क्रिती जाल्लो. ताचें नांव मागीर लुकाश दवरिल्लें. ताका सरकाराकडच्यान जायतीं बक्षीसां मेळिल्लीं.[१९४] हाचे वयल्यान पुर्तुगेजांनी गोंय धर्म प्रसाराक वाटून घेवन कशे तरेन गोंयचेर कब्जो केल्लो तें समजता. इन्क्विझिशन संस्था १५६० वर्सा आयली. तातूंतल्यान गोंयांत कामां करपाक लागले. मागीर १७७४ वर्सा मार्किश द पोंबाल हाणें ह्या संस्थेचेर बंदी हाडली. १७७९ वर्सा ह्या संस्थेची परत स्थापना जाली.[१९५] दों ज्युआंव द काश्त्रु हाणें फरमायलें की गोंयां हिन्दू लोकांनी फातराची, लाकडाची तांब्याची वा कसल्याच धातूची मूर्ती करची न्हय.

कसलेच हिन्दू लोकांचे जाहिर समारंभ जावंक दिवचे न्हय.[१९६] अशे तरेन पुर्तुगेजांनी आपलो क्रिस्ती धर्माचो प्रचार प्रसार करपाक हिंन्दूचेर कडक बंधनां घातिल्लीं नदरेक येतात.

अ. ना. म्हांबरो, "गोंयची अस्मिताय" ह्या संग्रहांतल्यान "गोंयकारांचें देवसपण" हो निबंध वाचतल्याक अपरूप दिसतलो कित्याक तर ह्या निबंधांत लेखक गोंयकारांक देवसपण लागना म्हणटा पूण देवसपण लागता पूण ते तितले पूरतेंच आसा. देखीक "गोंयकारांक धर्म लागना तसो देवूय लागना. कांय गोंयकारांक स्वामी लागता, पूण देव लागना. कांय जाणांक कथा किर्तनां पुराणां लागता, पूण देव लागना. देव लागलो ना तरी खूबश्या गोंयकारांक व्रतां, उपास, पुजा, जात्रा, उत्सव प्रसाद, भार ह्यो सगल्यो गजाली लागतात. ह्यो सगल्यो गजाली तांगेल्या देवसपणांत येतात. आनी देवसपण आनी देव हांचो तसो कांयच संबंद ना. देखून गोंयकारांक देवसपण लागता, पूण देव लागना."[१९७]

मुखेलपणान गोंयांत तीन धर्म आसात मुस्लीम, हिन्दू आनी क्रिस्तांव ह्या तीनूय धर्मांत त्या त्या परिन देवसपण आसा. पूण गोंयकार सामको धर्म पिसो आसपाक जायतसो ह्या निबंधांत दिसना.

## ३.८ गोंयची शिक्षणीक वेवस्था

गोंयचो समाज शिक्षणाच्या मळार फुडें आसलो तें फूडें दिल्ल्या देखी वेल्यान कळटा. दुस-या जयकेशी कंदाबाच्या गोवापुरी ह्या राजधानी शहरांत विद्वान पंडित पालख्यांनी भोंवताले हाचो उल्लेख सापडला. हाचो बरो पुरावो म्हणल्यार इटालियन व्यापारी फिलीमो संस्कृत भाशेचें अध्ययन करपाक गोंयांत आयिल्ले. तांणी बरयलां की बाटाबाटीच्या वेळार जे लोक गोंय सोडून गेल्ले तांच्यांत विद्वान पंडितांचो समावेश आशिल्लो.[१९८] रामचंद्र दत्ताजी कुलकर्णी नांवाच्या एका सावंतवाडच्या सर्वजणीक वृत्तीच्या गृहस्थान गोयांतल्या म्हापशें शारांत "गोमन्तक शिक्षण प्रसारक मंडळी" ह्या नांवान इ. स. १८८४ वर्सा मराठी शिक्षण संस्था घडयली आनी त्याच शारांत हे संस्थेची एक शाळा उगडली.[१९९] The First Geography of Goa - By G.S. Amonkar हांकां गुंडूबाब म्हणटात.

ते पयले हिन्दू जाणी गोंयांत इंग्लेज शाळा सुरू केल्यो.[२००] गोंयांत फिरंगी अमल आसतना, शिक्षण भोव कठीण जातालें, म्हणून साडेचारशीं वर्सांच्या पुर्तुगेज शिक्षणावरवीं आमचें अक्षरपण पांच टक्या वयर

पावंक ना.[२०१] आमच्या शिक्षण क्षेत्रांत पयलें पावल उजव्या पायांन घालुंक जाय, म्हणजे मुळावें वो प्राथमिक शिक्षण आवय भाशेंतल्यान जावंक जाय.[२०२] एल्फिन्स्टन इन्सिट्युटांतल्यान जायते गोंयकार शिकले आनी आप आपल्या उद्योगधंद्याक लागले तांचीं नांवां मेळटात. १८२७ वर्सा पास जाल्ल्या आत्माराम केशव भांडारे आनी १८४२ वर्सा पास जाल्ल्या रघुनाथ जगन्नाथ ह्या गोंयकारांनी शिक्षण क्षेत्रांत काम केलें. भांडारे हाणें फुडें United Service Gazette काडलें.[२०३] शिक्षण क्षेत्रांत जाणें व्हड कामगीरी केली मुंबयचे भावी पुढारी निर्माण केले, पुस्तकां आनी लेख बरोवन मासिकांचें संपादन केलें. ते पयले गोंयकार तांचें नांव गोविंद नारायण मडगांवकर. ९ व्या वर्सा बापायबरोबर मुंबय गेल्ले. थंय इंग्लेज शिक्षण घेतलें आनी डॉ विल्सनच्या शाळेंत शिक्षक म्हण लागले, आनी थोड्याच काळांत उत्कृष्ट शिक्षक म्हण नांव मेळयलें.[२०४] शिक्षण आनी संशोधन ह्या क्षेत्रांत खरें मोलादीक कार्य ज्या गोंयकारान केलें ते डॉ भाऊ दाजी लाड. १८५१ सालांत ग्रँट मेडिकल कॉलेजांतल्यान शिकून जे पयले आठ पदविधर भयर सरले तातूंत डॉ भाऊ, सेबास्तियांव कारवाल्यु, जे सी लिस्बोअ आनी अनंत चंद्रोबा दुकळे अशे चार गोंयकार आसले. डॉ भाऊ आनी जे सी लिस्बोअ हांणी वैद्यकीय संशोधन करून लेप्रोसीचेर वखदां सोदून काडलीं.[२०५] इतिहास संशोधनाची परंपरा फुडें व्हेली ती शणै गोंयबाब ऊर्फ वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकारान.[२०६] १५७५ वर्सा साश्टीचे कॉलेजींत कोंकणी भास शिकपी आठ जेजुईत पाद्री आसले.[२०७] २७ नोव्हेंबराच्या हुकुमनाम्या प्रमाण कोंकणी-पुर्तुगेज शब्दकोश तयार करचे खातीर आनी कोंकणी भाशेच्या विकासाचीं साधनां सुचोवचे खातीर सरकारान तीन वांगड्यांची एक समिती नियुक्त केल्ली. कुन्य रीव्हार,[२०८] बेर्नांदिनू सांतान पाशेकु आनी फ्रांसिश्कु लुइश गॉमीश हे समितीचे वांगडी आसले. २५ ऑक्टोबर १८५९ वर्साच्या सरकारी गॅझेटांतल्यान कुन्य रिव्हारान लोकांक कळयलें, शिकणा-यान खबर आशिल्ल्या गिन्याना कडल्यान खबर नाशिल्ल्या गिन्याना कडेन वचचें असो शिक्षण पद्धतीचो नेम आसा. परकी भास शिकपाक एकूच रीत आसा, ती म्हणल्यार, ते भाशेची सांगड आवयभाशे कडेन घालची. कोंकणी लोकांची आवयभास देखून तिचे कडेन दुर्लक्ष करपाची चूक हाचे फुडें करची न्हय आनी तिचो अभ्यास करचो.[२०९] १९१६ वर्सा गोवा काँग्रेस प्रोव्हिन्सियलचें पयलें अधिवेशन भरलें तातूंत मुळाव्या शिक्षणा पसत गोंयचे आवयभाशेंतल्यान शिक्षण दिवची रीत आपणावची असो ठराव मानून घेवन तो सरकाराक धाडून दिलो.[२१०] इ. स १९३२ वर्सा गोंयांत काँग्रेस प्रोव्हिन्सियलचें अधिवेशनात प्रोफेसर मारियानु जुजे दे सालदाञ 'गोंयांत कोंकणी शिक्षण' हो प्रबंध सरकारा मुखार सादर करतकच हाका सरकारान मान दिलो.[२११] मुक्ती उपरांत

गोंयात शिक्षणाचो प्रसार जावपाक लागलो. शेतकी तशेंच खाणधंद्याचें शिक्षण सोडून हेर सगल्या विशयांचें शिक्षण गोंयांत मेळपाक लागलें. जाणकारांच्या मता प्रमाण १९८० वर्सा गोंयांत ४०,००० एस. एस. सी, ४००० कला, शास्त्र आनी वेपार विशयाचे पदवीधर, १००० इंजिनियर, ५००० दोतोर शिक्षण घेवन नोकरी मेळोवपाच्या प्रयत्नांत आसले अशी गोंयची स्थिती आसली.[२१२] चंद्रकांत केणी हांच्या "गोंय आनी गोंयकार" ह्या निबंध संग्रहांत गोंयचीं भुरगीं विचित्र परिस्थितीच्या भरीक पडल्यांत. देखीक- "भुरगीं भायर कोंकणी उलयतातच. पूण इंग्लीश शाळेंत शिकतात जाल्ल्यान तांकां ते भाशेची संवकळ वाडची म्हणून आमी भुरग्यांकडेन इंग्लीश उलयतात".[२१३]

ही भयंकर स्थिती गोंयच्या समाजाक आनी कोंकणी भाशेक खंय व्हरून पावयत हाचो नेम हांगा काडूंक येना. महात्मा गांधी लेगीत सांगताले भुरग्यांचें शिक्षण आवयभाशेंतल्यान जावपाक जाय. शणै गोंयबाबान लेगीत आवयभाशेचें म्हत्व सांगलां. इतलें आसून लेगीत गोंयच्या समाजाक कोंकणी भाशेच्या शिक्षणाचें म्हत्व पटूंक ना हाचें अजाप दिसता. ह्या अजापाची खंत केणीबाबान उक्तायल्या.

### ३.८.१ गोंयच्या समाजांत कोंकणी भास, लिपी आनी वाद

१८५७ वर्सा सावन पूर्तुगेज सरकारान कोंकणी विकासा कडेन लक्ष घातलें.[२१४] ऐन वेळार ह्या उलोपांत शणै गोंयबाब म्हणटात कोंकणी भास देवनागरी लिपींत घोळोवंक जाय हाचें चड म्हत्वाचें एक कारण अशें आसा कि वेदीक भाशेची म्हालगडी धूव अशें जें तिचें रूप आमकां आज घसघशीत दिसता तें म्हेळूंक फावना आनी पुसून वचूंक जायना.[२१५] कोंकणी भाशेक सदांच आपल्या हक्का खातीर झगडचें पडलां. पूण कोंकणीचो पुरावो पुर्विल्ल्या काळांत मेळटा. हे खातीर शणै गोंयबाब कितें विचार करता तें पळोवंया. ते सांगतात "अशे तरेन कोंकणी भास नव्या कोंकणी समजाची एकवटाची घुडी जाता आनी ॐ सांतेरी पाव ! ॐ आंकवार मोरे पाव! ही कोंकणी होरावणी ह्या विसकळीत जावन पडिल्ल्या कोंकणी समाजाक एकठांय हाडपी फाकींवंत कोंकणी मंत्र जाता.[२१६] जेन्नां आर्किओलोजिकल सर्वे आफ इंडियान गोंयचें केपें आनी जांबावलीच्या वाठारांत उत्खनन केलें तेन्ना तांकां गोंयचे पूर्व पाशाणयुगाचें मानवालें अस्तित्व दिसून आयलें. हाचे वेल्यान दिसून येता कि आस्टिक, सुमेरीयन, आनी नाग वंशाचे जमातीनी कोंकणांत वास्तव्य केल्लें आसपाक जाय. ऑस्ट्रेलाईड वंशाचे मुंडा हांगेलो आनी सुमेरीयन लोकांले भाशेचो अवशेश कोंकणी

भाशेंत दिसून येता. देख- दोळो, परब, मुसुडु असले शब्द. गोंयच्यो धालो, नाच हो मूळांतलो मूंडा जमातीचो आसून धालो ह्या शब्दाचो अर्थ मुंडारी भाशेंत वा-याभाशेन हालचें म्हण्णुं जाता.[२१७] कोंकणी ही आर्य वसणूकेंतली भृगुवंशाचे परशुरामान हाडिल्ले त्रिहोत्रिनिवासी ब्रह्माणापासून जाल्ली. त्रिहोत्रिनिवासी हांचे वास्तव सरस्वती न्हंयेच्या आसपास आशिल्लें ब्रह्मावर्तातले ब्राह्मण आशिल्ले. आनी सरस्वती न्हंयेचे अंतरवर्तुळांतले आर्य आसून तांगेले निकटे संबंध भृगुवंशाच्या लोकांबरोबर आशिल्ले आनी तांगेली तोंडी भाशा शौरसेनी आशिल्लीं. वररुचीन जेन्ना प्रकृत भाशेचो अभ्यास केलो तेन्ना तांच्या प्रमाण शौरसेनी आनी म्हाराष्ट्रीचें मूळ संस्कृत आनी मागधीचें मूळ शौरसेनींत मेळटा. हाका लागून शौरसेनी आनी म्हाराष्ट्रीचो आपआपलो संबंध मागधीपरस जास्त लागींचो आसा. आनी सरस्वती न्हंयेच्या आसपास वेद आनी आर्य धर्मसंस्थेचें संकलन जाल्ल्यान तांचेर मूळ आर्य संस्कृतीचो प्रभाव चड प्रमाणांत स्पश्ट जाता. हाक लागून मागधी भाशेंतल्यान उत्क्रांत जाल्ली पूर्व हिंदी, बिहारी, बंगाली, मराठी आनी ओरिया.[२१८] १५१० वर्सा पयलीं गोंयांत कोंकणींत बरयल्लें बरपावळीचें एक पान वा मजकूर आमकां खंयसरूच मेळना. हाका कारण म्हणल्यार त्या काळार कोंकणी तोंडी भास जावन सोबताली. ती बरपावळिची भास जाली ना. खंयच्या रायाचो पालव तिका मेळ्ळो ना. कोंकणी बरपावळिची सुरवात जेज्वीत पाद्रींनी १५४२ वर्सा उप्रांत गोंयांत केली म्हण सांगूंक इतिहाशीक पुरावे मेळतात.[२१९] शौरसेनी आनी म्हाराष्ट्रीचो अभ्यास केल्यार तांच्या पासून उत्क्रांत जाल्ली हिन्दी, राजस्थानी, सिंधी, गुजराती, कोंकणी भाशेंत तद्‌भव उतरांचें खूब भंडार आसा. हाचेंच कारण म्हणल्यार कोंकणी भाशा मराठी परस वेगळी आसून शौरसेनी आनी म्हाराष्ट्री भाशेक लागीं आसा.[२२०] कांय देखी पळोवया-

**संस्कृत शौरसेनी कोंकणी**

पुत्रः पुतो पूत गतः गदो गेलो[२२१] इंग्लेज जाणकार जोन लीडन हांणीं केल्ल्या विधानावेल्यान कोंकणी ही मरीठीची बोली. पूण काळंतरान तांणी कोंकणी विशीं आपलें अज्ञान मान्य करून घेतलें. ह्या विधानाचेर कोंकणी भाशेचेर व्हड आगळीक हाडली त्या वेळार गोंयाच्या लोकांचेर समाजीक प्रभाव दिसून येता.[२२२] अशे तरेन कोंकणीचें अपूरें ज्ञान आशिल्ल्या जाणकारान कोंकणी आनी मराठी एक म्हटल्या पूण उपरांत जेन्ना तांकां तांची चूक समजल्या तेन्ना तांणी कोंकणी आनी मराठी वेगळी मानल्या.

रामकृष्ण जुवारकार हांच्या मंत्राक्षता ह्या संग्रहांत कोंकणी भास गोंयाची आपली भास आसा. ह्या भाशेची गोंयांत पाळां मूळां खंय आसात तें पळोवपाक हें अवतरण पळोवया. "कोंकणीचें पीक जरी गोंयांत सगळेकडे आयलें तरी कोंकणीचें कुळार मडगांव आनी कुळागर अंत्रुजेची कोंकणी"[२२३] अशे तरेन लेखकान निबंधाच्या माध्यमांतल्यान कोंकणी भाशेचें कुळार माडगांव आसा तें दाखयलां.

## ३.८.२ कोंकणी चळवळ आनी शिक्षण

पुर्तुगेज सरकार गोंयांत आसलें ते मेरेन कोंकणीच्या मळार वावर जातलो आसलो तो जांवक पावलो ना, जरीय तांच्या मानांत कोंकणी शिक्षणा खातीर कितें तरी करचें, अशें निमाणेकडेन दिसतालें.[२२४] मुंबय आनी हेर कोंकणी शारांनी 'कोंकणी परिशदो' घडून येताल्यो, त्या तेंपार खंयच्याय सरकाराचो आनी कोंकणी सामान्य लोकांचो व्हडलो तेंको नासलो.[२२५] कोंकणी राष्ट्रबांदावळीचे आठवे वळेरींत आस्पावपाची. खरें म्हणल्यार साहित्य अकादेमीन जेन्ना कोंकणीक भारताची एक स्वतंत्र साहित्यीक भास म्हणून मान्यताय दिली, तेन्ना वा रोखडीच ताच्या उपरांत कोंकणी भाशेक ते वळेरींत घेवची ही हक्काची मागणी १९९२ वर्सा मान्य जाली आनी कोंकणी भास राष्ट्रीय पातळीचेर पावली.[२२६] गोंयांतले पाखले गेले म्हणून हो हो करून रडपी आसले तशे गोंय सोमतेंच म्हाराष्ट्रांत विलीन करूंक म्हाराष्ट्र व्हडलें राष्ट्रा करूंक सोदतले परधार्जिणे वृतीन थळावे पूण देशी गुलाम आसले.[२२७] कोंकणी ही संस्कृतापासून आयल्या. हिंदी, बंगाली, गुजराती आनी मराठी हांच्या नात्यांतली ती भास. कोंकणी उतरांचो अर्थ समजून घेवपाक कानडी, मराठी आनी पुर्तुगेज भासो जाणून घेवप गरजेचें आसा. त्यान भायर गत्यंतर ना.[२२८] कोंकणीक जायती पिडा पिड सोसची पडल्या. चड करून फ्रांसीस्कान पाद्रींच्या दबावा खाला. पाद्रींनी कोंकणी साहित्य रचलें पूण मागीर कोंकणी आड हूकुम काडपाचो कडकडीत निर्णय घेतलो. १६८३ वर्सा गोंयच्या शाराचेर मराठ्यांची घुरी पडपाक आयली तेन्ना पासून कोंकणी भाशेचेर आनी गोंयचेर वायट दीस आयले. इंक्विजिसांवान सुरू केल्लें पाडें काम ह्या इतिहासीक म्हत्वाचे घडणूके कारणाक लागून तडीक पावलें. तेन्नाचे गोंयचे विसरै (राजपाल) कोंद द आल्वोर सांत फ्रासीश्क शावेरा लागीं प्रार्थना करूंक गेले कि गोंय दुस्मानाच्या चपक्यांत पडपाचें आसलें तें विघ्न कशेय भशेन पयस करचें. तेन्ना खंय मोगलां कडल्यान संभाजींच्या राज्याचेर पुण्यांत घुरी पडिल्ल्यान मराठा फौजी गोंयच्यान उठून परत्यो गेल्यो. सगळ्यांक सू जालें खरें. कित्याक व्हडल्या संकश्टांतल्यान गोंय वाटावलें. पूण तेन्नाच्यान विसरैच्या मनांत आपल्या

राज्यांतल्या गोंयकारां विशीं दुबाव निर्माण जालो. पुर्तुगेजांनी १६८४ वर्सा गोंयकारांच्या आड फर्माण काडलें ताका कोंकणीचें मर्णाचें फर्माण म्हणटात. गोंयकार क्रिस्तांवांक आपल्या हिन्दू आनी हेर धर्मांच्या भावां भयणां, सोय-यां कडल्यान कुशीन काडपाचो, तांकां पुर्तुगेज करपाचे आनी तांणी पुर्तुगेज आपणावची. १६८७ वर्सा तांकां कळ्ळें कोंकणी आजून जिती आसा. तेन्ना तांणी इंक्विजीसावान १७३१ वर्सा कोंकणी क्रिस्तांवांनी आपली भास सोडून पुर्तुगेज भास शिकची अशें फर्माण कडलें.[२२९] इंक्विजीसांवांचे पिडापिडेक लागून चडशे क्रिस्तांव गोंयकार सोळाव्या शेंकड्यांत गोंय सोडून गेले. त्या उपरांत सतराव्या आनी अठराव्या शेंकड्यांत महामारी जाल्ल्या कारणान गोंयकार गेले. हो लोक चड करून बारदेश ह्या भागांतलो.[२३०] गोंयां सावन भायर सरून गेल्ल्या क्रिस्तांवांनी कर्नाटकांत रावन आपल्या बरोवपा खातीर कन्नड लिपयेचो उपेग केलो, तर गोंयांत आशिल्ल्या क्रिस्तांवांनी मिशनरी पाद्रींनी हाडिल्ले रोमी लिपयेंत आपलें कोंकणी बरोवप केलें.[२३१] १९ डिसेंबराक १९६१ वर्सा गोंय मुक्त जालें. तो दीस कोंकणी भाशे पासत आनी कोंकणी समाजा पासत व्हडा उमेदिचो दीस आसलो. भाशेक एक भेस आसता. ह्या भेसाक लिपी म्हणटात. लिपयेचीं परत दोन आंगां आसतात. एक, वर्णमाळेचें. म्हणल्यार, आवाजाचें. आनी दुसरें, हे आवाज कागदार दाखोवपी अक्षरांचें. देवनागरी लिपयेची वर्णमाळा ही खंयचेय लिपये परस चड विज्ञानीक. पयलीं स्वर, मागीर व्यंजनाचे सात वर्ग ताळ्या पसून ओठां मेरेन क्रमान दिल्ले देवनागरींत आसात अशें संवसारांतले दुसरे खंयचेय लिपयेंत पोळोवंक मेळनात. भारतांतल्यो सगळ्यो लिपयो (रोमी आनी उर्दू सोडून बाकिच्यो) वर्णमाळेचे नदरेन एकेच कुळयेंतल्यो. ह्यो सगळ्यो लिपयो ब्राह्मी लिपयेंतल्यान आयल्यात.[२३२] देवनागरीची वर्णमाळा विज्ञानीक. पूण तिचीं अक्षरां विज्ञानीक न्हय. रोमी लिपयेची वर्णमाळ विज्ञानीक न्हय पूण तिच्या अक्षरांची बांदावळ सोपी. सव्वीस अक्षरांचीं चार रूपां आनी चार-स कुरवो इतल्याच्या म्हालवाजार तिका सगळ्या भाशांचे उच्चार सारके उकतावन दाखोवंक येतात.[२३३] रामचंद्र भिकाजी गुंजीकरांचें १८८४ वर्सा प्रसिद्ध जाल्लें "सरस्वती मंडळ" ह्या पुस्तकान शणै गोंयबाबांच्या मनाचेर खर प्रभाव घातलो. तेदे वेळार तांच्या मनांत आपल्या संस्कृतायेविशीं आनी आपल्या पुरातन इतिहासाविशीं अभिमान निर्माण जालो. इतलेंच न्हय तर आपूण आनी गोंयचे लोक उलयतात ते कोंकणी भाशेचे मूळ वेदीक भाशेंत (संस्कृतांत) आसा हें तांकां कळून आयलें. त्याच वेळार तांच्या मनांत भाशे बद्दल आदर आनी अभिमान निश्पन्न जालो.[२३४] शणै गोंयबाबान आपली विद्यार्थीदशा सोंपत्यार "रामराज्याभिषेक" नांवाचें एक मराठी नाटक बरयल्लें, आनी नाट्याचार्य अण्णासाहेब किर्लोसकार हांकां


वाचूंक दिल्लें. तें तांणी वाचून अशें म्हणलें, "तुमचें हें नाटक, प्रसंग घटणा, रचणूक आनी हेर नाट्यगुणांनी बरें आसा. पूण एके गजालीं खातीर तें माचयेर हाडपाचे योग्यतायेचें म्हाका दिसना. नाटकाचो प्राण म्हणल्यार तातूंतले संवाद. थंयच तुमच्या नाटकांत नड आयल्या. तुमची उलोवपाची भास मराठी न्हय, देखून तुमी रचलेले संवाद अस्वाभाविक जाल्यात. सहजपण ना. ते वाचिल्ल्यावरी दिसतात. उलैल्ल्यावरी दिसनात."[२३५] १८९८ वर्सा शणै गोंयबाबान कोंकणी बरोबपाचो फुरफुरो तांकां तेन्ना पासून येत रावलो आनी तांणी कितें ना कितें बरोवपाचो रियाज चालूच दवरलो.[२३६] आपल्या चल्याक आवयभाशेंत शिकोवपाक तांणी 'कोंकणीचें मुळावें पुस्तक' रचलें तें १९४० वर्सा छापून उजवाडाक आयलें.[२३७] अशे तरेन शणै गोंयबाबांक कोंकणी भाशेचो दिश्टावो जाल्ल्याचें नदरेक येता.

चंद्रकांत केणी हांच्या "गोंय आनी गोंयकार" ह्या संग्रहांत गोंयांत कोंकणीचें जैत आसून लेगीत नीज गोंयकारान कसलें पेसांव आपणायलां" इंग्लीश भाशेचें पिशें गोंयच्या समाजाचे मानेचेर इतलें घट्ट बसलां की भुरग्याच्या आवय बापायक परवडटा आसूं वा नासूं ते आपल्या भुरग्यांक खाजगी इंग्लीश शाळांनी धाडटात."[२३८] पूण कोंकणी भाशेन आपलें  कोंकणी जैत राखून दवरलां. "कोंकणीच्या जैताक तीन गजाली कारण जाल्यो. पयली गजाल म्हणल्यार भारतीय संघराज्यांत कोंकणी आपली भूंय आसा हें सिद्ध जाल्लें गोंय राज्य हो कोंकणी प्रदेश म्हणपाचें राष्ट्रान मान्य केलें. दुसरी गजाल म्हणल्यार कोंकणी राज्याची राजभास जाली. ताका लागून भारतीय संघराज्यांतली ती एक मुखेल भास जावन बसली. शिक्षणाचें माध्यम आनी एक विशय म्हणूनूय तिका मान्यताय मेळिल्ल्यान तिका प्रतीश्ठा येवंक पावली आनी तिची साहित्यीक तांक साहित्य अकादेमीचे मान्यतायेक लागून सिद्ध जाली."[२३९] कोंकणी भाशेक आपले हक्क मेळून लेगीत गोंयचो समाज तिका मान्य करीना. "आमच्या इतिहासावयल्यान आमी नदर भोंवडायली जाल्यार आमकां दिसतलें की खुबश्यो गजाली आमकां सोंपेपणान मेळ्ळ्यात. गोंय स्वातंत्र्याखातीर आमी कश्ट काडले, त्याग केलो हें खरें. पूण भारत सरकारान गोंय स्वतंत्र केलें ही गजाल आमी विसरूक फावना. ओपिनियन पोल आमी जिखले खरे. पूण भारत सरकारान आमकां ती अप्रूप संद दिली देखून राजकी फूडाराचो प्रस्न आमी सोडोवंक पावले. घटक राज्य आमकां आपसूक मेळ्ळें आनी आठवे वळेरेखातीर खटपट केली हें मान्य करून आमची भास सोंपेपणान थंय पावली हें विसरूंक फावना."[२४०]

प्रकाश तळवणेकार हांचो "गोंय आनी गोंयकारपण" निबंध संग्रह. तांच्या "हिंदु क्रिस्तांव एकवट गोंयांत कसो वाडलो?" ह्या निबंधांत लेखक गोंयच्या समाजाक कोंकणी भाशेची जाणीव करून दिता. "कोंकणी ही गोंयची भास, कोंकणी सोडून गोंयकारांची आनीक खंयचीच भास आसूं शकना. आवय भाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण आसचें हो जागतीक सिद्धांत. मुळाव्या शाळांनी आवय भाशेंतल्यान शिक्षण दिवप ह्या प्रस्तावाक सद्या गोंयांत बरो तेंको मेळटा. इंग्लीश, मराठी अशा वेगवेगळ्या भाशांनी शिक्षण घेतिल्ल्या गोंयकार विद्यार्थ्यांचे कोंकणी शब्द, उच्चार, कोंकणी शैली आनी साहित्यीक संस्कृतीक वेगळेंपण दिसता. ह्या सगल्यांमदें सारकेंपण हाडटलो जाल्यार गोंयांत कोंकणींतल्यान मुळावें शिक्षण सक्तीचें करप गरजेचें आसा" [२४१]अशे तरेन जो गोंयचो समाज इंग्लीश वा हेर खंयच्याय भाशेक आपल्या आवय भाशे परस श्रेश्ट मानता तांकां जागे करपाचो यत्न लेखकान केला.

## ३.८.३ गोंयचें कोंकणी साहित्य

कोंकणींतलो पयलो साहित्यीक वावर. कोंकणी इण्डो युरोपियन कुळांतली आर्विल्ली इण्डो  आर्यन भास. इण्डो आर्यन भाशेक भारतांत तीन ते साडे तीन हजार वर्सांचो इतिहास आसा. साडे तीन हजार वर्सांआदी हे भाशेचो इराण, इराक आनी पूर्व आशिया मायनरांत हजार वर्सां पळोवंक मेळटात. ख्रिस्ता आदीं देड हजार वर्सांच्या अदमासाक आर्य पयलेच इराणांतल्यान पंजाबावाटयां भारतांत भितर सरिल्ले आसूंक जाय अशें म्हणटात.[२४२] कोंकणीचीं पाळां मुळां पोन्ने पुरातन मुंडारी भाशेकडेन पावल्यांत म्हणपाचें हालींच्या काळांत जाल्ल्या सोदावेल्यान दिसूंक लागलां.[२४३] १८१२ वर्सा मानुयॅल दे सां गालदीन हांणी कोंकणी शिकोवपाक आडमेळो हाडलो, पूण एकुणिसाव्या शेंकड्या थावन कोंकणीचेर बरे दीस आयले. गोंयकार परतून आपले आवय भाशेवटेन वळपाक लागले.[२४४] सुमार १६ व्या शतमानांत पूर्तुगेजांनी घुरी घालून हो प्रदेश जिखलो. ते गोंयात येवचे आदिं हांगा कांयच साहित्य रचना जाली ना अशें म्हणूं नज.[२४५] कित्याक तर कृष्णदास शामा हांणी कोंकणी साहित्याची परंपरा चलयल्या.[२४६] कोंकणी भाशेची खरी उदरगत जातली जाल्यार भाशे बद्दल महात्मा गांधींचे विचार जाणून घेवंया. तांच्या मत्ता प्रमाण भाशा हें केवळ माध्यम. भाशा प्रभावी आसना, मनीस प्रभावी आसता. तो जर प्रभावी आसता, कर्तुत्ववान आसता, स्वाभिमानी आसता तर तांगेली भाशा प्रभावी जाता.[२४७] अशोक. आर. केळकर हांणी दवरिल्लो प्रादेशीक (Regional) भाशांचो आलेख. तातूंत कोंकणीचें मूळ ह्या आलेखखांतल्यान समजून घेवंया.




२४८

१० व्या शेंकड्या सावन ही लिपी नदरेक पडटा. विक्रम संवंत ९५५ वर्साच्या एका दानपत्रांत ही लिपी सगळ्यांत पयलीं नदरेक आयली. पूण विजयनगर राजाच्या दानपत्रांत बरयिल्ले हे लिपयेक नंदीनागरी म्हटल्या. नागरी लिपयेक सगळ्यांत लागीं आशिल्ली एक लिपी ७०६ वर्सा गुजरातचो राजा जयभट (तिसरो) हाणें दक्षिण शैलिचे पश्चिमी लिपयेच्या दानपत्रांत नागरी लिपयेंत सय केल्ली मेळटा. नागरी आनी नागरी कडेन लागिंचें नातें दाखोवपी दुसरी लिपी हांचो ख्रि. आ. ८ व्या शेंकड्यांत मोठो प्रसार जाल्लो. कोंकणी वाठारांतली उलोवपाची आनी वेव्हाराची मुखेल भास म्हणल्यार कोंकणी. कांय भाशाशास्त्री महाराष्ट्री प्राकृत आनी महाराष्ट्री अपभ्रंश भासांतल्यान कोंकणी घडली अशें मानतात. कोंकणी कोशकार श्रीपाद देसाय हांच्या मताप्रमाण १० व्या ते १२ व्या शेंकड्याच्या अदमासाक घोळपी अपभ्रंश भाशेंतल्यान कोंकणी घडली. ताच्या मतान राजस्थानी, कोंकणी आनी गुजराती ह्यो एका कुटुंबांतल्यो भासो. कोंकणी लेखनाची पयली वयली कुरू कर्नाटकांतल्या श्रवणबेळगोळाच्या गोमटेश्वरा (बाहुबली) च्या मुळासांत एका शिलालेखाचेर मेळटा. ताचेर देवनागरी लिपयेंतलीं दोन वाक्यां अशीं आसात

' श्री चावुण्डराजें करवियलें '

' श्री गंगराजे सुत्ताले '

वेल्या शिलालेखाचो काळ इ. स. १११६-१७ असो मानतात. हे तरेचीं 'करवियलें' सारकीं प्रयोजना उतरां वेल्या वाठारांत रावपी कोंकणी मनीस आयज लेगीत वापरातात जाल्यार हाचे वयल्यान कोंकणी १० व्या १२ व्या शेंकड्यांत आशिल्ली काय? हाचेर फूडें विचार करचो पडटलो.[२४९] जेन्ना पुर्तुगेज गोंयांत आयले तेन्ना तांणी गोंयचें साहित्य लासलें वा घेवन गेले हाचो सारको पुरावो मेळना. पूण पुर्तुगालाच्या ब्रागा शारांत आशिल्ल्या दप्तरांत होल्मल्लीं कोंकणी गद्याचीं हात बरपां त्या काळावेल्या गोंयांत चलतले कन्दवी लिपयेंत बरयल्ल्या ग्रंथांतल्यान गोंयकार पंडितांनी वाचिल्ल्यो वा सांगिल्ल्यो मुलकी रामायण आनी म्हाभारतांतल्यो कोंकणी काणयो पाद्रींनी ध्वन्यात्मक रोमी लिपयेंत पूण स्वरभेद चिन्नां लावन, बरोवन काडून घेतिल्ल्यो, तांची हीं हातबरपां हांगा पळोवंक मेळटात.[२५०] पूण हाचे आदीं १६०७ वर्सा गोंयांत छापून उजवाडाक आयिल्लो म्हणटात तो आयज मेरेन मेळिल्लो कन्दवी लिपयेंत बरयल्लो भायल्या पाद्रींचो घडये एकलो एकूच व्हड कोंकणी ग्रंथ जांवये. ताचें नांव, फ्लोस सांतोरूम (Flos Santorum), जो फ्रांसिस्कान धर्मसंघाचो एकूच छापिल्लो ग्रंथ आशिल्लो. एक एस्कोरियाल ह्या मठ राजवाडो समाधी इमारतींत राखून दवरिल्लो आसा म्हूणन कळ्ळां.[२५१] दौत्रीन क्रिस्तां १५५६ वर्सा,[२५२] वनवाळ्यांचो मळो १६५८-५९ वर्सा, सांत आन्तोनीचीं अचर्यां १६५५ वर्सा.[२५३] सगळ्या वरूसाचें वांजेल १६६७ वर्सा, देवाचीं येकांग्र बोलणी १६६० वर्सा, तीं हातबरपां कृष्णदास शामा वा तांच्या सांगात्यांनी, विष्णुदास नामा, शीवदास, ज्ञानदेव आनी वैषम्पायन[२५४] पुर्तुगेज गोंयात पांय दवरचे पयलींय कोंकणी पुस्तकां आसलीं. रामायण, महाभारत, सारके ग्रंथ आसले, जे त्या वेळाच्या येवरोपेव धर्मप्रसारकांनी रोमी लिपयेंत लिपयांतरीत करून दवरिल्ले. देवनागरींतल्यान वा तेन्ना जी खंयची लिपी वापरातले तांतुंतल्यान बरयल्लीं कोंकणी पुस्तकां आसलीं, जीं मिशन-यांनी बाटोवणे वेळार देवळांचो आनी मुर्तीचो विध्वंस करतना लासून उडयल्यांत आसूंक जाय. फांकिवंत पंडित, पुर्तुगेज सरकारांतलो मुखेल सचिव (१८५५-१८७०) ज्योआकीं हेलियोदोर दा कुञ्य रिव्हार 'कोंकणी भाशेवयलो इतिहासीक निबंद' ह्या (Ensaio Historico da Lingua Concani) ह्या १८५८ वर्सा छापून उजवाडायिल्ल्या पुर्तुगेज पुस्तकांत[२५५] गोंयचो समाज कोंकणी भाशेचो कशे तरेन वापर करता ताचेर उजवाड घातला. रामकृष्ण जुवारकार हांच्या "मंत्राक्षता" निबंध संग्रहांत, गोंयचो समाज कोंकणी भाशेच्यो कशो भगल्यो करतात त्यो दाखयल्यात. गोंयकारांची आवयभास कोंकणी अशें मानतात पूण कोंकणी आवयभास आसून पासून सगळ्योच आवयो आपल्या भुरग्यांकडेन कोंकणी उलयता अशें ना. कांय इंग्लीश उलोवचो प्रयत्न करतात. जमना थंय कोंकणी उतरां घालतात. देखीक चवथ is

coming. i am making नेव-यो for elephant god.[२५६] अरविंद नारायण म्हांबरो हांच्या "कोंबो गेलो तारवार" ह्या निबंध संग्रहातलो निबंध. ह्या निबंधांत गोंयचें केंकणी साहित्य फादर थॉमस स्टीफन्सच्या क्रिस्तपुराण ग्रंथाचो आनी शणै गेंयबाबांल्या संवसार बुट्टेचो उल्लेख आयला. हे दोनूय मनीस कोंकणी मनशां आनी गोंयाखातीर म्हत्वाचे थारतात. तांणी गोंयच्या समाजाक आपलें अस्तित्व दाखोवन दिलां. ज्या वेळार गोंयच्या मनशाक कोंकणी आपली भास म्हण खबर नासली त्या वेळार ह्या सिद्ध मनशानी कोंकणी अशे तरेचे मोलादीक ग्रंथ रचले. कोंकणी मनशांक कोंकणी भाशेची जाणविकाय करून दिली. घाण ह्या उतराक खंयच्या भाशेंत एक वा दोन उतरां आसता. पूण जायमालाबाय कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय दाखोवन दिता ते पळोवया. " १) सामकी हळशीक घाण येता ताका दर्भट्टाण म्हणटात - म्हणचे हळशिकेचो, गटाराचो, दुकरा कोणाचो बी वास येता तेन्ना!

२) रानांत शेवलो बी कुसता जांव कितेंय हुंदीर बी मरून कुसता ताचो जो कुसको वास येता ताका कुसट्टाण म्हणटात. हे भायर, ३) नुस्त्याची हिंवसाण, ४) मुताची खातसाण, ५) ताकाची बुट्टाण ६) कांद्याची कानुट्टाण, ७) सोलांची आमुट्टाण, ८) हुमेची हुमसाण, कुबट्टाण- बी, "[२५७]

अशे तरेन गोंयच्या कोंकणी समाजांतल्या भाशेची गिरेस्तकाय कोंकणी साहित्यांत दाखोवपाचो यत्न जयमालाबायन केला.

## ३.९ गोंयांत जाल्लो समाजीक बदल

## गोंय पुर्तुगेजांच्या शेकातळा आशिल्लें तेन्नाची समाजीक स्थिती

१५१० ह्या वर्सा जेन्ना पुर्तुगेजांनी गोंयांत पांय दवरलो तेन्ना सावन गोंयांत निरंतर समाजीक बदल जायत गेलो. ताचो प्रभाव मागीर हांगा रावतल्या लोकांचेर पडलो. ह्या प्रभावांतल्यान हांगा रावतल्या लोकां मदीं समाजीक बदल जालो. त्या बदलाचेर उजवाड घालूंया. पुर्तुगेजांची आपल्या धर्माचो प्रचार आनी प्रसार करपाची तळमळ ही आशिल्लीच. पूण अशे तरेन धर्मांतरां घडोवन हाडलीं म्हणटकच गोंयच्या लोकांचो स्वाभिमान, संस्कृताय हें सगलें चिड्डोवन उडोवप शक्य जातलें आनी आपणाले सत्तेक कोणाचीच भिरांत उरची ना हो ताचे फटलो पुर्तुगेजांचो खरो उद्देश आशिल्लो. त्या काळार चडशे लोक अशिक्षीत, पोरण्या

विचारसणीचे धर्मांध आनी अंध श्रद्धाळू आशिल्ले. हाचो फायदो पुर्तुगेजांनी घेतलो. जायते कडेन तांणी कोणाच्या बांयंत शीत, पांव, कोणाच्या घरार दुकराचें मास उडयलें. बांयत जांव घरांर अशो कसल्यो वस्ती उडयल्यो म्हणटकच त्या घरांतले लोक बाटले! ते आंतां हिंदू उरूंक नात! ते क्रिस्तांव जाले! असो पाखले प्रचार करताले आनी मारपेट करून धर्मांतरां घडोवन लोकांक क्रिस्तांव करताले. अशे तरेची सक्ती बाटयल्ल्या लोकांक म्हणल्यार आपणांल्या नात्यागोत्यांतल्या भावां भयणींक लेगीत घरांतल्या लोकांनी आनी समाजान केली. ते आतां आमच्यांतले न्हय असो दिश्टीकोन दवरून तांचे बरोबरचे संबंद तोडून उडयले, तांकां समजून घेतलें ना.[२५८] कमलाकर दत्ताराम म्हाळशी "ऋतुचक्र" ह्या निबंध संग्रहांत, अशे तरेचो उल्लेख मेळटा "गोंयांत चालू आशिल्ल्या सिव्हील रजिस्ट्रेशन कायद्याप्रमाण त्या लग्नाची नोंद 'सिव्हील रजिस्ट्रेशन ऑफिसांत' जावची पडटा."[२५९] हो कायदो भारतांत पयलीं गोंयांतच आशिल्लो, आनी तो फकत पुर्तुगेजां खातीर जावपाक पावलो. कित्याक तर तांणीच लग्न जाल्ल्यांक कायद्याची शिस्त गोंयच्या समाजाक दाखोवन दिल्या.

## ३.९.१ गोंयाक मुक्ती मेळटकच समाजीक परिस्थिती

गोंयांत सगळ्या गांवांनी वीज आनी नळाचें उदक पावलें. शिक्षण, उद्योग, पर्यटन, बांधकाम, रस्ते, नुस्तेमारी, राना, शेती हांचो विकास जायत गेलो. गोंयच्या उदरगतीचीं पावलां हीं स्वतंत्र गोंयांतलीं मोडणांच म्हणचीं पडतलीं. पूण ही विकासाची गती वाडपाक समाजीक राजकी आनी अर्थीक बाजू जापसालदार आसतात हें आमी विसरूंक फावना.[२६०] गोंय स्वतंत्र जालें आनी कोंकणी समाजाक आपले वेगळे अस्मितायेची एक नवी जाग येवंक लागली. पूण तेच बरोबर कोंकणी एक खर मोडाक तोंड दिवचें पडलें. कोंकणी भास काय बोली हो वाद आदीं आसलो, आतां ताका राजकी मोडण मेळ्ळें आनी हो वाद महाराष्ट्रीय आनी गोंयकार, गोंयकार आनी गोंयकार असो व्हड प्रमाणांत उमळून वयर सरलो.[२६१] १६ जानेर १९६७ ह्या दिसा गोंयांत 'ओपिनीयन पोल' जालो. हातूंत लोकांनी महाराष्ट्रांत वचपाचो प्रस्ताव भायर मारलो आनी कोंकणी मुखावयली एक आडखळ पयस जाली.[२६२] तेदे वेळार डॉ जेक सिक्वेरा यूनायटेड गोवन ओपोजिशन पार्टीचे ते मुखेली आसले.[२६३] ८ जुलय, १९३९ वर्सा कारवारा पयली अ. भा. कोंकणी परिशद स्थापन जाली. २६ फेब्रेर १९७५ वर्सा कोंकणी साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी. ४ फेब्रेर १९८७ कोंकणी राज्यभास दीस. पयलीं गोंय केंद्र शासीत प्रदेश आसलें. ३० मे १९८७ ताचें घटक राज्य

जालें. ९ एप्रिल कोंकणी दीस. २० आगोस्त १९९२ वर्सा घटनेचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आसपाव. अशे तरेन कोंकणी भाशेची आनी समाजाची उदरगत जाल्ली दिसता.

## ३.९.२ आधुनीक गोंयचो समाज

गोंय मुक्त जाल्या बरोबर विकासाच्यो जायत्यो संधी बहुजन समाजाखातीर उकत्यो जाल्यो. ताचें पुराय श्रेय बहुजन समाजाच्या नेतृत्वा खाला जाल्ल्या पयल्या सरकाराक फावो जाता.[२६४] गोंयकार एक समाज, एक समुदाय कसो जियेता.[२६५] आधुनीक गोंयांत चड औद्योगीकरण दिसून येता. पयलीं गोंयांत जो समाज दिसतालो तो समाज आतां गोंयांत दिसना. गोंयचे लोक सुशेगात म्हणटात ही म्हण सामकी पोन्नी जाल्या. कित्याक तर गोंयच्या लोकांचे रीत रिवाज बदल्ल्यात. १९६२ वर्सा गोंयांत ख-या अर्थान लोकशायेक आरंभ जालो.[२६६] गोंय मुक्त जावन गोंयांत मगो पक्षाचें सरकार सत्तेर येत सावन गोंयांत शेजारच्या राज्यांतले लोक नोकरे खातीर, धंद्या खातीर जे येवंक लागिल्ले ते आज मेरेन येत आसात. आयच्या ह्या आधुनीक गोंयांता तीन प्रकारच्या गटांतले लोक राबितो करून आसात. एक उद्योजक गट जो सामान्य गोंयकारांत मिसळना, पूण तांच्या खुस्तार धंदो करता आनी तांचें उठप बसप राजकारणी आनी उच्च लोकांमदीं जाता. दुसरे प्रकारचे लोक सरकारी अधिकारी, शिक्षक प्राध्यापक वो तेच दर्जाचे काम करपी. आपूण, आपली फमिली आनी वेवसाय बरो म्हूण जियेवपी. तिसरो गट म्हणल्यार मजूर वर्ग. आयज आमकां रस्त्यार मोठ्या प्रमाणांत दिसता तो मजूर वर्गूच. ह्याच मजूर वर्गाच्या वाडट्या लोकसंखेक लागून गोंयांत समाजीक प्रदूशण जालां. गोंयचे लोक भायल्या गांवांनी स्थायीक जाल्यात आनी गोंयां भायल्या लोकांक तांणी आपलीं घरां भाड्यान दिल्यांत. हें खातीर गोंयांत समाजीक प्रदूशण जावपाक लागलां. ज्या घर मालकांच्या घरांत हे लोक रावतात त्या घर मालकाक लुटतात आनी खून करतात असल्यो घडणूको हालीं तेंपाक घडूंक लागल्यात.[२६७] गोंय बदलत आसा. गोंयांत परप्रांतीय लोक जे कायद्यान गोंयकार जाल्यात, सद्या तांणी आपले वेगळे वेगळे जुंवे केल्यात. कन्नड जुंवो, हिन्दी, तामीळ, तेलगू अशे विभाग गोंयांत आसात. ते गोंयचे मतदार जाल्यात. इतलेंच न्हय तर पयशांच्या आशेन आमच्या लोकांनी तांकां जमनी विकल्यात. तांणी घरां बांदल्यांत. तांचो आंकडो वाडत आसा.[२६८] गोंयचो बदल कसो जालो जाल्यार गोंय मुक्त जालें त्या वेळार गोंयची लोकसंख्या स लाख आशिल्ली. हातूंतले तीन लाख सास्ट, बारदेश, तिसवाडी, आनी मुरगांव ह्या वाटारांत शिंपडिल्ले आसले. स्वराज्याच्या पंधरा वर्सांत गोंयची लोकसंख्या धा लाख जाल्या. चार लाखांची तातूंत भर पडल्या. सास्ट, बारदेश, तिसवाडी, आनी मुरगांव

ह्याच वाटारांत ते रावतात. भायले लोक पेडणे, वाळपय, सांग्यार, काणकोण रावनात. मुरगांवचें बंदर धरून म्हापशें पणजे, फोंडा, मुरगांव बंदरा लागसरलो वाटार आसा थंय ते रावतात. हे लोक आमचें जें उद्योगीक धोरण चल्ला ताका लागून आयल्यात. हें उद्योगीक धोरण आमी सोडूंक ना. सोडटले म्हणपाची आसूय ना. तें तशेंच चलतलें आनी येत्या धा वर्सांत हातूंत आनीक धा लाखांची भर पडटली. तिवूय सास्ट, बारदेश, तिसवाडी, आनी मुरगांव ह्याच वाटारांत पडटली.[२६९] सरकार गोंयचे कारखाने करपाक सोदता. कित्याक तर तातूंतल्यान लोकांक कामां मेळटलीं. पूण हे खातीर गोंयचें वातावरण लेगीत इबाडटा. कामा निमतान भायले लोक गोंयात आयल्यात. हांगाच्या थळाव्या लोकांक कामां मेळनात. तेच तरेन ह्या लोकांच्या दुंयेसाखातीर राज्यांत दुयेंसां वाडटात.[२७०] गोंयचो कायापालट जायत आसा. कांय जाण आपल्या आपसुवार्थाखातीर गोंयचें स्वरूप गोंयकारपण काबार करपाक मुखार सरल्यात.[२७१] तरणाट्यांनी गोंयच्या पुनर्निर्मणेंत आपलो वांटो घेवन आपल्या जापसालदारके प्रमाण तांणी गोंयची समाजीक, अर्थीक, शिक्षणीक, राजकी आनी संस्कृतीक वेवस्थेंत वांटो घेवन आपले तांकी प्रमाण गोंयचे उदरगतीक हातभार लायला.[२७२] चंद्रकांत केणी हांच्या "गोंय आनी गोंयकार" ह्या निबंध संग्रहांत गोंय कशें बदल्लां तें पळोवंया. "आमचे नदरेन गोंय बदल्लां तें वयलेचाराक. आदलीं चार चौक्यांची घरां वचून व्हडल्यो व्हडल्यो इमारती जळामळा उब्यो रावल्यात. वस्ती वाडल्या तशी झोपडपट्टीय वाडल्या, रस्ते अशीर जाल्यात. गोंयांत स्वतंत्र्या उपरांत लोकशाय आयल्या आनी ताका लागून लोक उलोवंक लागल्यात. आपल्यो कागाळी उक्तेपणान मांडूंक लागल्यात. शिकिल्ल्या बेकारांचो एक नवो वर्ग तयार जाला. शिक्षण घेतिल्ले तरणाटे परंपरेचे वेवसाय चलोवंक लजेतात. शेतां बुडोवन आमी नुस्तें पागूंक लागल्यात. आनी शेतां पुरोवन घरां बादूंक लागल्यात. हे सगले बदल स्वातंत्र्या आदलें गोंय जांणी पळयलां त्या सगल्या गोंयकारांक जाणवतात."[२७३] ह्या कथनांत गोंयचो समाज बदलिल्लो पळोवपाक मेळटा. चंद्रकांत केणी हांचो "गोंय आनी गोंयकार" ह्या निबंध संग्रहांत अशे तरेन गोंयच्या समाजांत कांय प्रमाणांत बदल दिसून येतात. १९६१ वर्सा सात लाख गोंयकार आसले आनी १९९४ वर्सा हे लोकसंखेचो आंकडो ११ लाखां वयर गेलो.[२७४] "फाटल्या ३० वर्सांच्या काळांत (१९६१-१९९०) गोंयची लोकसंख्या दुप्पट म्हणल्यार १२ लाख जाल्या आनी दीसपट्टी ती वाडतच आसा. गोंयच्या विकासाचे दोन मुख्य परीणाम खंयचे आसत जाल्यार ते रानां पातळ जावप आनी पिकावळीची जमीन घरां वा कारखाने बांदचेखातीर वापरप, लोकसंख्येची वाड हो उद्देगिकीकरणाचो परिणाम. चडश्या सुवातीनी शेतांनी आनी बांदांनी बेकायदेशीर झोपडपट्टी वाडत

रावल्या. हे झोपडपट्टी भायर तात्पुरते तंबू उबारूनय लोक रावतात. हे लोक गोंयांत कित्याखातीर आयले, तांकां कोणें हाडलें, ते करतात कितें आनी तांचें फूडें जातलें कितें हाचो कोणच विचार करिना."[२७५] अशे तरेन गोंयच्या समाजांत भायल्यान आयिल्ले लोक गोंयचे गोंयकारपणाचो इबाड करीत आसात.

चंद्रकांत केणी हांचो "गोंय आनी गोंयकार" ह्या संग्रहांत गोंयचो जेन्ना चड विकास जावूंक नासलो तेन्ना गोंयांत फक्त सात लाख गोंयकार आपलो राबितो करून आसले. लोकांक आपल्यो मूलभूत गरजो भागोवपाक त्रास जावपाक लगिल्ल्याचें जाणवता. देखीक "गोंयांत पिवपाचें उदक शारांनी पावोवपाची जी वेवस्था आयज आसा ती पुराय गोंयची गरज भागोवंक पावना. हें उदक एका काळार गोंयची गरज भागयतालें. पूण हालींच्या वर्सांनी शारांचो विस्तार जालो आनी नवे नवे कारखाने आयले. मूळ उदक वेवस्थेचेर ताण पडत रावलो. वेवस्था तीच, पूण चड उदक दीसपट्टें खर्च जावंक लागिल्ल्यान ती वेवस्था आयज गोंयची गरज भगोवंक पावना".[२७६] अशे तरेन गोंयची समाजीक गरज कशे तरेन वाडल्या ती कळटा.

दीपा मुरकुंडे, भौरंगी जीण ह्या संग्रहांत नरकाचे उदरगतीखातीर ह्या निबंधांत लेखीकेन गोंयांत उदरगतीच्या नांवान जे भ्रश्टाचार जातात ते सांगपाचो यत्न केला. गोंयांत वीज, उदक, कोयर, रस्त्यांनी फोंडकूलां आनी बेकारी ह्या सगळ्या प्रस्नांचेर उजवाड घालपाचो यत्न हांगा केला. गोंयांत नरकाची कशे तरेन उदरगत जाल्या तें वेगवेगळ्यो देखी दिवून सांगपाचो यत्न केला." तूं गोंयांत खंय रावतालो रे? यमान ताका विचारलें. काळखावाड्यारूच महाराज. ताणें जाप दिली. कितें? गोंयांत काळखावाडो आसा? तुमकां विजेचें कनॅक्शन दिवंक ना तर? यमान विचारलें. कनॅकशन आसा महाराज. पूण बाराय काळ तेराय म्हयने वीज आपालिपा खेळटा. ताका लगून आमच्या वाड्याचें खरें नांव लोक विसरून गेल्यात आनी आमच्या वाड्याक काळखावाडो हें नांव पडलां. थंय सदांच काळखांत वावरून आमकां काळखांत बेस बरें दिसता. आमच्या दोळ्यांक विजेचो त्रास जाता, त्या भुरग्यान सांगलें. ताचें सगळें उलोवणें आयकून यमान म्हळें, आरे हाका ख्यास्त भोगोवपाखातीर दीस आनी रात उजवाड आसा अशा जाग्यार दवर."[२७७] अशे तरेन वीज नासून गोंयच्या समाजाचे कशे हाल जातात ते सांगपाचो यत्न लेखिकेन केला. दिनेश मणेरकरान, "वेंचिल्ले खीण" ह्या संग्रहांत "आतां झोपडपट्टी मंत्री जायच..." ह्या निबंधांत वाडट्या झोपडपट्टीचेर खंत

उक्तायल्या. आनी ह्यो झोपडपट्टी मंत्र्यांची वोट बँक वाडयतात. पूण त्यो कश्योच हालपाचें नाव काडनात. देखीक "मडगांवची झोपडपट्टी आतां हालतली आशी आशा ना. कांय ना जाल्यार कोर्टाची 'स्टे' ऑर्डरीची सांखळ तिका घट्ट धरून दवरतली."[२७८] जयंती नायक हांच्या "लोकमंथन" ह्या पुस्तकांत गोंय सॅक्युलरीझम अशें मानता आसलें जाल्यार लेगीत. "भारतांतल्या हेर वाठांरासारको गोंयचोय गांवगाडो जातीवेवस्थेचेर आदारून आशिल्लो. गांवांत आशिल्ल्या दर एके जाती वा घराण्याच्या मनशाक गांवच्या गांवगाड्यांत थारावीक मान आसतालो. गांवां खातीर ताणें अमुकच सेवा चाकरी दिवपाचें थारायिल्लें आसतालें. जल्म मरण सारक्या प्रसंगार आनी लग्न कार्याच्या वेळार प्रत्येक जातीच्या मनशाक थारावीक काम वा सेवा वांटून दिल्ली आसताली. देखून प्रत्येक जाण गांवांकडेन बांदून उरतालो आनी एकाद्रे व्यक्तीचें व्यक्तीगत दुख्खय सामुहीक जावंक पावतालें."[२७९]अशे तरेची गोंयच्या जाती वेवस्थेचो समज पळोवपाक मेळटा.

## निश्कर्श

सुटके उपरांत  गोंयचें अस्तित्व ना करपाक हांगाच्या लोकां मदीं वाद विवाद जावपाक लागले. गोंयकारांनी घटक राज्याची जी मागणी केली ताचें कारण गोंयचें समाजीक आनी भाशीक वेगळेपण हें आसलें. गोंयची संस्कृती ही भारतीयच आसा ही गजाल खरी आसली जाल्यारय महाराष्ट्र आनी कर्नाटक आनी हेर राज्यांक जशें वेगळेपण आसा तशेंच गोंयाक लेगीत आसा कोंकणी निबंधांतल्याल गोंयचो सैम, गोंयचें भुगोलीक वर्णन, गोंयची अस्मिताय, गोंयचो पुर्तुगेजां पयलीं आनी पुर्तुगेज कालीन इतिहास सांगपाचो यत्न केला. गोंय जर महाराष्ट्रांत गेलें जाल्यार गोंयच्या समाजाचें कितें जातलें हाचेर उजवाड घालपाचो यत्न केला. गोंयच्या इतिहासाची गोंयकारांक चड म्हायती ना हें सांगपाचो यत्न केला. पुर्तुगेज गोंयचेर साडेचारशीं वर्सां राज्य करपाक पावले. कोंकणी समाजाक जायत्या आडमेळ्यांक तोंड दिवचें पडलां. गोंयचो इतिहास पळयल्यार गोंयचो मुळावो समाज सामको शिंपडून पडिल्लो जाणवता. पूर्तूगेजांनी केल्ल्या आक्रमणा पासत गोंयचो समाज सामको विस्कळीत जालो. हे खातीर गोंयचो कोंकणी समाज गोंयाकडच्यान पयसावलो. ह्या कोंकणी समाजाक लागीं हाडपाचो यत्न कोंकणी निबंधान केला. गोंयच्या अस्मितायेचो आनी गोंयच्या समाजाचो दिश्टावो दाखयतना निबंध साहित्य प्रकारांत लेखकाची समाजीक अभिव्यक्ती पळोवपाक मेळटा. गोंय मुक्त जावचे पयलीं आनी जाल्या उपरांत जे समाजीक प्रस्न निर्माण

जाले तांचें पडबिंब निबंधांत जाणवता. समाजतले रित, रिवाज, कायदो, परंपरा, अंधश्रद्धा आनी हेर मान्यतायो. तेच तरेन बायल मनशेंत जाल्लो बदल. तिका पळोवपाची समाजाची नदर कशे तरेन बदल्ली. समाजांत जाल्लो भ्रश्टाचार, बेमानपणा आनी आपसांत जाल्ल्या झगड्याचो परिणाम. तेच तरेन युवा वर्ग कशे तरेन बदल्लो हाचो प्रभाव समाजाचेर खरसाणेन नदरेक येता. हो बदल गोंयच्या कोंकणी निबंध साहित्याचो युगीन परिवेश ह्या अध्यायांत दिसून येता.

कोंकणी अस्मिताय हे संकल्पनेचें कोंकणी संस्कृताय हे संकल्पनेकडेन घट नातें आसा. कोंकणी अस्मितायेचें दर्शन, कोंकणी संस्कृतायेच्या लोक गितां, लोक काणयो, लोक कला, लोक उत्सव, लोक परबो, लोक समज, लोक चाली, लोक अन्न, लोक भेस, लोक शिंगार, लोक बांदावळी ह्या आंगांच्या मध्यमांतल्यान मुखेलपणान घडटा. तांच्याच माध्यमांतल्यान कोंकणी समाजान फटलीं शेंकड्यानी वर्सां कोंकणी अस्मितायेचें जतनय करून दवरलां. साहित्याचेर परिणाम जाल्ल्या कारणान गोंयांत जायते वेगवेगळे साहित्य प्रकार जल्माक आयले. गोंयची खरी आनी नीज संस्कृताय नुस्तेकान्न, रेंदेर, पदेर, रायबारी, शेट, मडवळ, घरचाकर, म्हालो हातूंतल्यान जाणवता. कोंकणी समाजाची अस्मिताय जर आज जिवी आसा तर ती कोंकणी संस्कृतायेच्या वेगवेगळया माध्यमांक लागून जिवी आसा. हातूंत गितां, काणयो, म्हणी, उमाणीं, सारको मौखीक लोकवेद, अळंकार शिंरगार, मुस्तायकी, बांदावळी, शिल्पां-विरगळां सारको भौतीक लोकवेद, नाच, नाटकां, खेळ सारको सादरीकरणाचो लोकवेद, तश्योच साबार चाली रिती आनी परंपरांचो आस्पाव आसा. कोंकणी मनशान फाटल्या शेंकड्यानी वर्सांसाकून संस्कृतायेच्या ह्या विविध माध्यमांचो सांबाळ केला आनी तेवरवीं आपले कोंकणी अस्मितायेचें जतन केलां. गोंयांत परकी राजवटी चड जाल्ल्या कारणान गोंयचो इतिहास बदल्लो, संस्कृती बदल्ली, हांगासरल्या समाजाचेर परिणाम जाल्ल्या कारणान हांगासरलो समाज बदल्लो. ह्याच समाजाचो परिणाम गोंयच्या साहित्याचेर जावपाक लागलो.

# संदर्भ सूची आनी टिपो

[1] गडकरी माधव, असा हा गोमंतक, कोहिनूर प्रकाशन, पणजी, गोवा, १९७५, पान १०.

[2] संपा. वेरेंकार श्याम, कोंकणी ललित निबंद, साहित्य अकादमी, १९९७, पान २९.

[3] पर्येकार प्रकाश, दवरणें, भूमि प्रकाशन, सावर्शे, सत्तरी, -गोंय, २००५, पान १२४.

[4] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान २.

[5] म्हांबरो अ.ना., गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन, १९७८, पान ७.

[6] केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ३९.

[7] म्हांबरो अ.ना., कोंबो गेलो तारवार, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७, पान २.

[8] केणी चंद्रकांत, बिंबां पडबिंम्बां, १९८९, पान २.

[9] कुडचडकार जयेश चित्रा, मनाचो हारसो, कुळागर प्रकाशन, मडगांव, १९९६, पान ७७.

[10] डॉ कानोळकर बाळकृष्णजी, गोमंतकीय साहित्यातील शोधस्थळे, गोमंतक मराठी अकादमी, पयली आवृत्ती- मार्च २००८, पान २२.

[11] संपा. डॉ. सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश- १, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव गोंय, १९९१, पान ६४४.

[12] साखरदांडे प्रजल सुनापरान्त, गोंयचो इतिहास, विशेश पुरोवणी, शुक्रार, १९ डिसेंबर, २००३, पान ४.

[13] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, माझ्या मातीचे गायन, सिध्दांत पब्लिकेशन, अस्नोडा-गोवा, पयली आवृत्ती ३० डिसेंबर, २००७, पान ४.

[14] साखरदांडे प्रजल सुनापरान्त, गोंयचो इतिहास, विशेश पुरोवणी, शुक्रार, १९ डिसेंबर, २००३, पान ४.

[15] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पृ ४०.

[16] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पृ ४१.

[17] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पान ४१.

[18] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पान ४२.

[19] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पृ ४२-४३.

[20] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, पृ ४२.

[21] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४०२.

[22] सुखठणकर जगन्नाथ स, पोर्तुगीज राजवटीतील स्वांतत्र्य लढ्याची पाने, गोमंतक मराठी अकादमी, पणजी गोवा, पयली आवृती - एप्रिल १९९२, पान २३.

[23] संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, विश्वनाथ ना. लवंदे, खास अंक, १९८५, पान १३.

[24] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ३६९.

[25] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान ६०.

[26] म्हांबरो अ. ना., गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन,१९७८, ७.

[27] जुवारकार रामकृष्ण, मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान ९२.

[28] जुवारकार रामकृष्ण, मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान ९२.

[29] तळवणेकार प्रकाश, गोंय आनी गोंयकारपण, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००१ पान ४९.

[30] नायक विष्णू, स्वाती, जाग प्रकाशन, १९९२, पान पुस्तकाची मांडावळ.

[31] केळेकार रवीन्द्र, भौ- भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र, उदय लक्ष्मीकान्त भेंब्रो, कोंकणी भाशा मंडळ, ९ एप्रील १९७४, पान ५.

[32] संपा शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, चंद्रकांत केणी, १९८१, पान १५.

[33] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान १२२.

[34] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान १२३.

[35] सरदेसाई मनोहर हिरबा, गोमंतकाचे असे ते दिवस, पुरोगामी प्रकाशन, करंजाळे, गोवा, १९९४, पान १०.

[36] Aurora Couto Maria, Goa The Daughter's Story, Penguin Viking India, 2004, पान २.

[37] साखरदांडे प्रजल सुनापरान्त, गोंयचो इतिहास, विशेश पुरोवणी, शुक्रार, १९ डिसेंबर, २००३, पान ४.

[38] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३० पृ ७.

[39] तरुण भारत, अक्षरयात्रा, दीपावली विशेषक, रविवार २६ऑक्टोबर २००८, गोंय आणि गोंयकार, पान ५.

[40] संपा. डॉ सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश- १, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, गोंय, १९९१, पान ६५०.

[41] संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, चंद्रकांत केणी, १९८१, पान १६.

[42] संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, चंद्रकांत केणी, १९८१, पान १६.

[43] कोंकणी लेखक परिशद दुसया अधिवेशना वेळार वाचिल्लो निबंद, जैताचें आनीक एक पावल, करमली नागेश कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, पणजी, अध्यक्ष केळेकार रवीन्द्र हांचें उलोवप, १९७० पान १२ – १४.

[44] संपा- दो. गोमीश् ओलिवीञ्यु जु. फ्रां, सोळाव्या शेंकड्या- आदलें कोंकणी रामायण, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव, तळपार, गोंय, पयली उजवाडणी २८ मार्स, १९९६, पान प्रस्तावनेचें पयलें पान.

[45] केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००२, पान ८२.

[46] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा- सारस्वत, पुणे, १९७९, पान १४६.

[47] संपा - आलमेदा मातेव, जे. स, सोद ६, तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, २००४, पान ४.

[48] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा- सारस्वत, पुणे, १९७९, पान १४८

[49] सारस्वत, गोंयचो हिंदू आनी प्रजासत्ताक, कामत वासुदेव, ह्या दो. नोरोन्य आंतोनियु द्, हांच्या पुस्तकाचो संक्षिप्त अणकार, चैत्र - ज्येष्ठ - १९१६ पान ३३.

[50] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३० पृ ३-६.

[51] संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब - खंड २, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००३, पान १४६.

[52] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४०९- ४१०.

[53] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०, ९९- १००.

[54] सातोस्कार बा. द, गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ४२०.
[55] म्हांबरो अ.ना., गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन,१९७८, १५.
[56] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ४२६.
[57] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ४२७.

[58] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ४९१.

[59] सातोस्कार बा. द, गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ४९५.

[60] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५०१.

[61] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५०३.

[62] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५०८ - ५०९

[63] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४१२.

[64] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४१७.

[65] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५२९.

[66] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ४१९

[67] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४२०.

[68] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५३०.

[69] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५३१.

[70] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५५७ – ५६२.

[71] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५६४.

[72] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ५६५

[73] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ४२८.

[74] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ४२३.

[75] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ४२३ – ४२४.

[76] म्हांबरो अ.ना., गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन,१९७८, १४.

[77] मणेरकर दिनेश, वेंचिल्ले खीण, संजना पब्लिकेशन, सांगे गोंय, १९९३, पान ४१.
[78] मणेरकर दिनेश, वेंचिल्ले खीण, संजना पब्लिकेशन, सांगे गोंय, १९९३, पान ५०.
[79] साखरदांडे प्रजल सुनापरान्त, गोंयचो इतिहास, विशेश पुरोवणी, शुक्रार, १९ डिसेंबर, २००३, पान ४.

[80] संपा. थळी प्रकाश, कुळागर, प्रकाशन मडगांव गोंय, सुनीता धेंपे, मार्च - १९८७, पान ९ – १०.

[81] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ३९५.

[82] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ३९६.

[83] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान ७१.
[84] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपे, गोंय, २००८, पान ७६.
[85] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३३.

[86] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३३.

[87] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३४.

[88] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान २ – ४.

[89] संपा. दो. गोमीश् ओलिवीञ्यु जु. फ्रां, सोळाव्या शेंकड्या- आदलें कोंकणी रामायण, गोंय विद्यापीठ तांळगांव तळपार, गोंय, पयली उजवाडणी २८ मार्स, १९९६, पान प्रस्तावनेचें – १९.

[90] कर्णिक मधु मंगेश, जिवाभावाचा गोवा, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, पयली आवृत्ती १२ - २ - १९८६, पान १०३.

[91] संपा. दो. गोमीश् ओलिवीञ्यु जु. फ्रां, सोळाव्या शेंकड्या - आदलें कोंकणी रामायण, गोंय विद्यापीठ ताळगांव तळपार, गोंय, पयली उजवाडणी २८ मार्स, १९९६, पान प्रस्तावनेचें – २८.

[92] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३२.

[93] Dr. A. de Braganza Pereira, Historia Religiosa de Goa, Vol, I pg. 44, देसाई स. शं. ४.

[94] गडकरी माधव, असा हा गोमंतक, कोहिनूर प्रकाशन, पणजी, गोवा, १९७५, पृ ३०.

[95] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३९२.

[96] संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब - खंड २, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००३, पान १६.

[97] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३५-३६.

[98] साखरदांडे प्रजल सुनापरान्त, गोंयचो इतिहास, विशेश पुरोवणी, शुक्रार, १९ डिसेंबर, २००३, पान ४.

[99] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३६.

[100] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ३६-३७.

[101] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान १२ – २२.

[102] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ६४.

[103] खेडेकर विनायक विष्णू, लोकसरीता, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३, पान ६४.

[104] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३३४.

[105] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, कमलाकर म्हाळशी, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३८५.

[106] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ३३७.

[107] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३८५.

[108] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, कमलाकर म्हाळशी, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३८६.

[109] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३८६.

[110] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ३८२.

[111] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, २००३, पान ३८८.

[112] संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, १९७७, सातोस्कार बा.द, पान ५३.

[113] संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, २००३, पान ३८५.

[114] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान ९.

[115] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान ३६.

[116] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान २६.

[117] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान ७१.

[118] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान ७८.

[119] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान १०८.

[120] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान १२१.

[121] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान १६३.

[122] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान २२१.

[123] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान २१०.

[124] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती- २००५, पान १७९.

[125] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान १८९.

[126] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान १९४.

[127] केरकार राजेंद्र पांडुरंग, गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पयली आवृत्ती - २००५, पान २०३.

[128] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान १३.

[129] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान ५७.

[130] म्हांबरो अ.ना., गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन,१९७८, १३.

[131] Esteves Sarto, GOA AND ITS FUTURE, Manaktala and Sons Pvt. Ltd, Bombay, 1966, pg 30 – 45.

[132] Esteves Sarto, GOA AND ITS FUTURE, Manaktala and Sons Pvt. Ltd, Bombay, 1966, pg 52 – 59.

[133] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान २२.

[134] केणी चंद्रकात, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००२, पान ८२

[135] थळी प्रकाश, कोंकणी निबंध एक अभ्यास, संपा. केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ म्हाड्डोळ, गोंय, दिवाळी अंक, १९८५५, पान ३२-३५.

[136] नायक जयंती, बनवड गायनांतल्यान कोंकणी अस्मितायेचें जतन, संपा. वेरेंकार श्याम, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, नायक जयंती, २००२ पान ३४.

[137] सरदेसाय लक्ष्मणराव, खबरी कांय वर्मांच्यो कांय कर्मांच्यो, सेवा समिती प्रकाशन,१९८०, ८३

[138] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ५१.

[139] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ५३.

[140] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ५७.

[141] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ६१.

[142] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ६५.

[143] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ६८.

[144] देशपांडे राव कमला देवी, सैम - सांगात, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२, पान ७०.

[145] केणी चंद्रकात, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान १२.

[146] केणी चंद्रकात, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान १२.

[147] केणी चंद्रकात, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ३८.
[148] केणी चंद्रकांत, बिंबां पडबिंम्बां, १९८९, पान ५१.
[149] केणी चंद्रकांत, बिंबां पडबिंम्बां, १९८९, पान ५१.
[150] दणायत जयमाला, करबट, राजहंस वितरण, १९९४, पान ४१.
[151] दणायत जयमाला, करबट, राजहंस वितरण, १९९४, पान ५१.
[152] दणायत जयमाला, करबट, राजहंस वितरण, १९९४, पान ५३.
[153] मुरकुंडे दीपा, भौरंगी जीण, श्री हरी प्रकाशन, १९९९, पान ८१.
[154] लवंदे सुधा वसंत, ओंवळां, संजना पब्लिकेशन, सांगें गोंय, २००६, पान १०३.
[155] म्हाळशी कमलाकर दत्ताराम, ऋतुचक्र, ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९७ पान २२ — २३.
[156] म्हाळशी कमलाकर दत्ताराम, ऋतुचक्र, ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९७ पान ६७.
[157] कुडचडकार जयेश चित्रा, मनाचो हारसो, कुळागर प्रकाशन, मडगांव, १९९६, पान ७९.
[158] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपें, गोंय, २००८, पान २.
[159] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपें, गोंय, २००८, पान २०.
[160] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपे, गोंय, २००८, पान २२.
[161] दणायत जयमाला, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं, बिम्ब प्रकाशन, २००६ पान ७.
[162] दणायत जयमाला, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं, बिम्ब प्रकाशन, २००६ पान ८३.
[163] दणायत जयमाला, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं, बिम्ब प्रकाशन, २००६ पान २८
[164] दणायत जयमाला, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं, बिम्ब प्रकाशन, २००६ पान २८ — २९.
[165] म्हांबरो अ.ना., कोंबो गेलो तारवार, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७ पान २९.
[166] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपे, गोंय, २००८, पान १३.
[167] गोमिश परेर रुई, १.------------------------
[168] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड २, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ३५२.
[169] सातोस्कार बा. द, गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड २, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान १५४.
[170] सातोस्कार बा. द, गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड २, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान १४७.

[171] सातोस्कार बा. द., गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड २, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा - सारस्वत, पुणे, १९७९, पान ३५३ — ३५६.

[172] संपा. डॉ. सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश - १, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव, गोंय, १९९१, पान ६५३.
[173] संपा. बोरकार दिलीप, बिम्ब, प्रकाशक दिलीप बोरकार, डिसेंबर १९९६ - जानेवारी ९७, पान ११.
[174] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान २.
[175] सुखठणकार दत्ताराम, मान्नी पुनंव, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९७७, पान ८.
[176] जुवारकार रामकृष्ण,मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान १३.
[177] जुवारकार रामकृष्ण, मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान १९.

[178] म्हांबरो अ.ना., कोंबो गेलो तारवार, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७, पान २०.
[179] म्हाळशी कमलाकर दत्ताराम, ऋतुचक्र, ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९७ पान ३२.
[180] संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब - खंड २. आ. गों. क. जि., गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस् ब्रागांझ, जून २००३, २१०
[181] संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब - खंड २. आ. गों. क. जि., गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस् ब्रागांझ, जून २००३, २१०- २११
[182] आजचा व कालचा गोमंतक.(संपा) रौप्य महोत्सव समिती, धि गोवा हिंदु असोसिएशन, मुबई, १९५४, पान ३४.

[183] संपा. डॉ. सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश - १, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव गोंय, १९९१, पान ६४९.

[184] संपा. डॉ. सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश - १, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव गोंय, १९९१, पान ६५०.

[185] देसाई कुमुद, गोव्याचे विलीनीकरण की संघप्रदेश, हिमालय पब्लिकेशन धारगळ - पेडणें - गोवा, १९६६ ,पृ ३२.

[186] सावर्डेकर बाळकृष्ण, गोमंतक परिचय, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३० २२-२३.
[187] तळवणेकार प्रकाश, गोंय आनी गोंयकारपण, गोवा कोंकणी अकादेमी बोरी फोडें गोंय, मार्च २००१, पान २७.

[188] तळवणेकार प्रकाश, गोंय आनी गोंयकारपण, गोवा कोंकणी अकादेमी बोरी फोडें गोंय, मार्च २००१, पान २९.

[189] संपा. डॉ सरदेसाय मनोहरराय, कोंकणी विश्वकोश- १, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव गोंय, १९९१, पान ६४३.

[190] संपा. केणी चद्रकांत, कुळागर, नव गोमंत प्रकाशन मडगांव गोंय, अ. ना. म्हांबरो, एप्रिल- १९७९, पान ६.

[191] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ३६.
[192] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचालनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ३८.
[193] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचालनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ४१.

[194] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ४१.

[195] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ४०.
[196] सरदेसाई हिरबा मनोहर, गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी - गोवा, १९८६ पान ४२.
[197] म्हांबरो अना, गोंयची अस्मिताय, जाग प्रकाशन, १९७८, पान १९.

[198] डॉ कानोळकर बाळकृष्णजी, गोमंतकीय साहित्यातील शोधस्थळे, गोमंतक मराठी अकादमी, पयली आवृत्ती- मार्च २००८, पान ६.

[199] नायक रा. ना, शणै गोंयबाब, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१, पान ७.

[200] Aurora Couto Maria, Goa The Daughter's Story, Penguin Viking India, 2004, पान २.

201 संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, प्रो लु. आ. रोद्रीगिश, दिवाळी अंक, १९८६, पान ११.
202 संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, प्रो लु. आ. रोद्रीगिश, दिवाळी अंक, १९८६, पान ११.
203 वावुरपी संपा. वेळूसकार रमेश भगवंत, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, सातोस्कार बा. द., १९७८, पान ३०.
204 वावुरपी संपा. वेळूसकार रमेश भगवंत, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव. गोंय, सातोस्कार बा.द., १९७८, पान ३०.
205 वावुरपी संपा. वेळूसकार रमेश भगवंत, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, सातोस्कार बा.द., १९७८, पान ३१.
206 वावुरपी संपा. वेळूस्कार रमेश भगवंत, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, सातोस्कार बा.द., १९७८, पान ३२.

207 Francisco de Souza. Oriente Conquistado a Jesus Christo, parte 2a, cong, 1-2-12, Bombay, 1886, pg 64, Cited in प्रभुदेसाई, वि. बा, सतराव्या शतकांतली गोमंतकी बोली पान ६२.-----------------------------------------------

208 ज्योआकीं एलियोदोरु द कुन्य रिव्हार हे १८५५ च्या जून म्हयन्याचे तीन तारकेर गोंयच्या गव्हर्नरांचे सरचिटणीस म्हणून गोंयांत आयले. १८७६ वर्स मेरेन ते गोंयांत पुर्तुगेज गव्हर्नराचे सरचीटणीस म्हणून आसले. Lobo Theophilus: 2006: XII---------------

209 सरदेसाई मनोहर हि, गोमंतकाचे असे ते दिवस, पुरोगामी प्रकाशन, करंजाळे, गोवा, १९९४, पान ५२
210 ठराव २४ वो. विनायक नारायण शेणवी धुमे. 'कोंकण, कोंकणे आणि कोंकणी' गोमंतकाची प्रतिमा.(संक.) बा. द. सातोस्कर, श्री सरस्वती प्रकाशन,पणजी - गोवा, १९७३, पान ८९ .
211 ठराव २४ वो. विनायक नारायण शेणवी धुमे. 'कोंकण, कोंकणे आणि कोंकणी' गोमंतकाची प्रतिमा.(संक.) बा.द. सातोस्कर, श्री सरस्वती प्रकाशन,पणजी - गोवा, १९७३, पान ९१.
212 संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, प्रभाकर आंगले, १९७७, पान ३७.
213 केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ३६.
214 सरदेसाई मनोहर हि., गोमंतकाचे असे ते दिवस, पुरोगामी प्रकाशन, करंजाळे गोवा, १९९४, पान ५१.
215 संपा. वर्दे वालावलीकार शांताराम, शणै गोंयबाब - खंड १, गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस् ब्रागांझ, जून २००३, पान १९५.

216 केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, शणै गोंयबाबाली कोंकणी अस्मिताय जागोवपी बरपावळ, माधवी सरदेसाय, जून अंक, १९९८ पान ८.

217 सोंदे नागेश, कोंकणी भाशेचो इतिहास, वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागर प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुबंय, पयली आवृत्ती- फेब्रुवारी १९८१, पान १७.
218 सोंदे नागेश, कोंकणी भाशेचो इतिहास, वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागर प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुबंय, पयली आवृती- फेब्रुवरी १९८१, पान ३३ – ३४.

219संपा. नायक प्रताप, जे. स, सोळाव्या शेंकड्यांतलें कोंकणी म्हाभारत आदि पर्व, तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, पणजी गोंय, १९९०, पान प्रस्तावना, ७.

220 सोंदे नागेश, कोंकणी भाशेचो इतिहास, वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागर प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुबंय, पयली आवृती- फेब्रुवरी १९८१, पान ३४.

221 सोंदे नागेश, कोंकणी भाशेचो इतिहास, वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागर प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुबंय, पयली आवृती - फेब्रुवरी १९८१, पान ४६.

222 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान ८८.

223 जुवारकार रामकृष्ण, मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान ७३.

224 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान १११.

225 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, १९९६, पान १११.

226 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान १३९.

227 संपा. डॉ हळर्णकार तानाजी, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, एन, शिवदास, १९८६-८७, पान २८.

228 कोंकणी लेखन परिशद दुस-या अधिवेशना वेळार वाचिल्लो निबंद, जैताचें आनीक एक पावल, करमली नागेश कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, पणजी, उद्घाटक श्री गोपाळ आपा कामत (गोंय, दामाव आनी दीव विधानसेभेचे अध्यक्ष) हांचें उलोवप, १९७० पान २.

229 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान ३१- ३२.

230 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान ५५.

231 डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन- चांदर गोंय, १९९६, पान ६४.

232 केळेकार रवीन्द्र, भौ- भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र, उदय लक्ष्मीकान्त भेंब्रो, कोंकणी भाशा मंडळ, ९ एप्रील १९७४, पान ६१

233 केळेकार रवीन्द्र, भौ- भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र, उदय लक्ष्मीकान्त भेंब्रो, कोंकणी भाशा मंडळ, ९ एप्रील १९७४, पान ६१-६२.

234 नायक रा. ना, शणै गोंयबाब, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१, पान ८.

235 नायक रा. ना, शणै गोंयबाब, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१, पान १३.

236 नायक रा. ना, शणै गोंयबाब, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१, पान १७.

237 नायक रा. ना, शणै गोंयबाब, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१, पान १९.

238 केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ५९.

239 केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ६१.

240 केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ६३ – ६४.

241 तळवणेकार प्रकाश, गोंय आनी गोंयकारपण, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००१ पान ५३.

242 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान ६८ – ६९.

243 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३ पान १०६.

244 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान १२०.

245 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान २७३.

246 संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३, पान ९१.

247 सोंदे नागेश, कोंकणी भाशेचो इतिहास, वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागर प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुबंय, पयली आवृती- फेब्रुवरी १९८१, पान ५५.

248 Sardesai Madhavi, A Comparative Linguistic And Cultural Study of Lexical Influences on Konkani, Goa University, Department of English, 2006, pg 4.

[249] केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, लिपी - एक सोद, पंढरीनाथ सुरसुरे, दिवाळी अंक, २००० पान ३० — ३१.

[250] डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, १९९६, पान १३.

[251] डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी मानसगंगोत्री, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, २०००, पृ, वेंचीक पोरण्या कोंकणी सीहित्याची व्हांवती ५०.

[252] डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी मानसगंगोत्री, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, २०००, पृ, वेंचीक पोरण्या कोंकणी सीहित्याची व्हांवती — ५२.

[253] डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी मानसगंगोत्री, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, २०००, पृ, वेंचीक पोरण्या कोंकणी सीहित्याची व्हांवती — ५३.

[254] डॉ. गोमिश् ओलिव्हीञ्यु, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय, १९९६, पान १४.

[255] केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, कोंकणी समाजाच्या भौशीक वेव्हारांत कोंकणी भाशेची सुवात, आंतोन द पीयदाद मोराइश, एप्रील - मे अंक, २००४ पान २७.

[256] जुवारकार रामकृष्ण, मंत्राक्षता, चामुंडा प्रकाशन, २००५, पान ८३.

[257] दणायत जयमाला, आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं, बिम्ब प्रकाशन, २००६ पान ७५- ७६.

[258] तळवणेकार प्रकाश, गोंय आनी गोंयकारपण, गोवा कोंकणी अकादेमी बोरी फोडें गोंय, मार्च २००१, ४९.

[259] म्हाळशी कमलाकर दत्ताराम, ऋतुचक्र, ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९७ पान ११२.

[260] भोसले सुरेश संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, वर्सुकी विशेशांक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, (स्वतंत्र गोंयच्या इतिहासांतलीं मोडणां) १९९५, पान ४६.

[261] केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, कोंकणी समाजाच्या भौशीक वेव्हारांत कोंकणी भाशेची सुवात, आंतोन द पीयदाद मोराइश, एप्रील - मे अंक, २००४ पान २८.

[262] केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, कोंकणी समाजाच्या भौशीक वेव्हारांत कोंकणी भाशेची सुवात, आंतोन द पीयदाद मोराइश, एप्रील - मे अंक, २००४ पान २८.

[263] Gomes Olivinho J.F., Goa, National Book Trust, India, New Delhi, 2004, pg. 85.

[264] डॉ कानोळकर बाळकृष्णजी, गोमंतकीय साहित्यातील शोधस्थळे, गोमंतक मराठी अकादमी, पयली आवृत्ती- मार्च २००८, पान १११.

[265] केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, कोंकणी समाजाच्या भौशीक वेव्हारांत कोंकणी भाशेची सुवात, आंतोन द पीयदाद मोराइश, एप्रील - मे अंक, २००४ पान २९.

[266] संपा. बोरकार दिलीप, बिम्ब, प्रकाशक दिलीप बोरकार, जानेवारी २००५, पान ७.

[267] संपा. बोरकार दिलीप, बिम्ब, प्रकाशक दिलीप बोरकार, जानेवारी २००५, पान ११ — १३.

[268] संपादक - दिलीप बोरकार, बिम्ब, प्रकाशक दिलीप बोरकार, जानेवारी २००४, चंद्रकांत केणी, पान १४.

[269] संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, रवीन्द्र केळेकार, १९७७, पान ५५.

[270] Gomes Olivinho J.F., Goa, National Book Trust, India, New Delhi, 2004, Introduction pg. 9 — 10.

[271] संपा. नायक राजू, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, डॉ हळर्णकार तानाजी, मडगांव गोंय, १९९५, पान ३३.

[272] संपा. नायक राजू , कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, डॉ हळर्णकार तानाजी, १९९५, पान ३१.

[273] केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ३५.

[274] भोसले सुरेश संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, वर्सुकी विशेशांक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, (स्वतंत्र गोंयच्या इतिहासांतलीं मोडणां) १९९५, पान ४६.

[275] केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ३१.
[276] केणी चंद्रकांत, गोंय आनी गोंयकार, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४ पान ६९.
[277] मुरकुंडे दीपा, भौरंगी जीण, श्री हरी प्रकाशन, १९९९, पान ८.

[278] मणेकरा दिनेश, वेंचिल्ले खीण, संजना पब्लिकेशन, सांगे गोंय, १९९३, पान ९६.

[279] डॉ नायक जयंती, लोकमंथन, राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपें, गोंय, २००८, पान ४.

# ४. निबंध कृतींचें समाजशास्त्रीय विवेचन

## विशय प्रवेश

ह्या अध्यायांत निबंधकारांच्या निबंधांचें समाजशास्त्रीय विवेचन केलां. तेचतरेन निबंध प्रकारांचेर उजवाड घातला. लेखक हो समाजांत वावूरपी मनीस आशिल्ल्या करणान ताच्या साहित्यांत समाज दिसता. समाजांत मनीस एकटो केन्नाच रावना. समाजांतल्या जण एका मनशाक सांगात्यांची सदांच गरज जायच पडटा. जेन्ना मनीस ऐकामेकाच्या सहवासांत येता तेन्ना समाज घडटा. तेन्नाच मनशाची सगळ्या आंगांतल्यान घडण जाता. मनीस संघटीत रावन समाज घडयता. ह्याच समाजाचे निरीक्षक लेखक आसतात. जें नदरेक येता तें सरळ लेखक कागदार चितारतात. तांचो तो अणभव आसता. ह्या अणभवांतल्यान तांकां समाजाविशीं दिसपी आत्मियता, आपलेंपण दिसून येता. समाज परिवर्तन जावचें, समाजांतल्या घडणूकां लागीं समाजांतले मनीस क्रियाशील जावन. आपलें समाजाविशींचें कर्तव्य समजूचें हे पासत लेखक साहित्य निर्मणी करता. निबंधकारांनी आपल्या साहित्यांतल्यान कितली समाजीक जागृताय हाडल्या तें जाणून घेवंक हांवें जे निबंध संवाद अध्ययन करपाक घेतल्ल्यात तातूंत समाजीक तत्वां खंयचीं आसात हाची पुराय विभागणी करून अध्ययन केलां.

रवीन्द्र केळेकाराच्या चिंतनात्मक निबंध साहित्याची वळख करून घेवंया. तांच्या निबंध साहित्यांत तांणी जीं तत्वां आपल्या साहित्यांत हाताळल्यांत त्या तत्वांचो विचार करूंया. रवीन्द्रबाब काकासाहेबाच्या सहवासांत आशिल्ल्यान तांच्या शैलीचेर, विचारांचेर आनी विचार करपाच्या पद्धतीचेरूय काकसाहेबांचो प्रभाव असा.[१] वेगवेगळे निबंध प्रकार लेखकाच्या साहित्यांत आसपावतात. त्या निबंध संग्रहांच्या प्रकारांची विभागणी केल्या. पूण ह्या प्रकारांत लेखकान रचिल्ल्या सगळ्या संग्रहांचो आसपाव करूंक ना. फक्त तांणी रचिल्ल्या चिंतनात्मक निबंध प्रकारांच्या तत्वांचो सोद प्रबंधांत गरजेप्रमाण आसपाव केला.

लेखकान समाजांतल्या वेगवेगळ्या विशयांचेर विचार मांडल्यात. हाचे वयल्यान लेखकाची समाजीक जागृताय दिसून येता. लेखकाच्या साहित्यांत गांधी, काकासाहेब कालेलकार, समाजीक, धर्मीक, राजकी आनी साहित्यीक विचार मेळटात. वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां), ओथांबे (चिंतनां), सांगाती (चिंतनां), तांचे चिंतनात्मक निबंध संग्रह वाचतकच तांच्या विचारांची खोलाय दिश्टी पडटा. समाजांत रवीन्द्रबाबांक जे

अणभव जाणून घेवपाक मेळयात ते अणभवांचेर लेखकान आपल्या लिखणेंतल्यान दाखोवन दिल्यात. तांच्या बरपांतल्यान शांत आनी स्थीर मनांच्या लेखकाच्या मनाची जाणीव तांच्या लिखणेंतल्यान जाता. कित्याक तर रवींद्रबाबच्या प्रत्येक विचारांत शितळसाण आसा. देखीक - वेळे वयल्यो घुलो ह्या निबंध संग्रहांतले हें अवतरण पळयात. "काल सांजचो भायल्या वारांदार सदचे भाशेन वॉल्तेरार बशिल्लों आनी मुखावेली रूखावळ नियाळटालों. दीस पडपाक अजून कळाव आशिल्लो. इतल्यान मुखावेले रुखावळीर नारंगी उजवाडाचो शिंवर पातळ्ळो आनी जशी कितें धर्तरेची ल्हंवेन ल्हंव फूलून आयिल्ले वरी दिसली."[२] ह्या अवतरणातल्यान लेखकाची शांत मनस्थीत जाणवता. तेच तरेन लेखका भितरलो काल्पनीक कवी जाणवता. कित्याक तर लेखका प्रमाण रुखावळीर उजवाड पडटकच धर्तरेची ल्हंवेन ल्हंव फूलिल्ल्या वरी लेखकाक जाणवता.

आमच्या सदच्या जिवितांतले पूण विचारांनी आमकां कितलें शिकूंक मेळटा तें आमकां रवींद्रबाबच्या लिखणेतल्यान समजता. कित्याक तर तांचें हेर साहित्याचें वाचप आसलें त्या भायर श्रेष्ट व्याक्तींच्या सहवासांचो तांचेर प्रभाव आसलो. अशें आशिल्ल्यान हो प्रभाव तांच्या साहित्यांतल्यान नदरेक येता. देखीक काकसाहेबांचे विचार. रवींद्रबाब हें अश्टतासांचें व्यक्तिमत्व अशें म्हणपा फाटल्यान कारण हें की रवींद्रबाबान फक्त कोंकणींतल्यान लिखाण करूंक ना, तर मराठी, गुजराती, हिन्दी, इंग्लीश, पुर्तुगेज अशा वेगवेगळ्या भासांनी तितलेच उमेदीन बरयलां. एक ध्येयवादी आनी कृतीशिल राजकर्णी, गांधी-जीवन दृष्टीचे एक तळमळीचे समर्थक आनी व्याख्याकार. एक विचार प्रवर्तक स्तंभलेखक. समाजीक प्रबोधनाच्या उद्देशान सातत्यान बरयत रावपी लेखक. रवींद्रबाब हे बरोवपी म्हण आपल्याच विश्वांत रावूंक नात तर एक बरोवपी म्हण आपूण समाजीक देणें लागता हें सत तांकां होलमलां. ताणीं खुबशे समाजीक चळवळींनी वांटो घेतला. ती चळवळ मागीर ओपीनयन पोलाचे वेळावेली जांव, भाशा आंदोलनाची जांव, घटकराज्याखातीर जांव, नाजाल्यार नायलॉन ६-६ विरोधी चळवळ जांव, ताणी तितलेच पोटतिडकीन वांटो घेतला. पलायनवादी भुमीका रवींद्रबाबान केन्नाच आपणायली ना. स्पश्टवक्तेंपण, आपणाक कितें दिसता तें निर्भिडपणान सभेमाजार मांडलां.[३] तेच तरेन पांडुरंग भांगींच्या निबंधांत निबंधांचे वेगवेगळे प्रकारांक धरून निबंध तितले नात, पूण त्या प्रकारां अंतरगत निबंधांचीं तत्वां सोदवावर करतना नदरेक येतात. त्याच आदाराचेर तांच्या निबंध संग्रहांक कसाक लायलां. दत्ता दामोदर नायक हांचो जाय काय जूय? ह्या निबंध संग्रहाचें विवेचन केलां. जाय काय जूय? ह्या निबंध संग्रहांत जीं तत्वां मेळ्ळयां त्या तत्वांचेर लक्ष केद्रींत

करपाचें काम ह्या सोद वावरांत केलां. मुकेश थळी हांच्या निबंधांत समाजीक जागरूतायेचे निबंध आशिल्ल्याचें जाणवता. ह्या बरोवप्यांनी बरयल्ल्या पुराय साहित्याविशीं सांगप कठीण जाल्ल्यान तांच्या साहित्याची अशी विभागणी केल्या.

## ४.१ समाजीक निबंध

रवीन्द्र केळकार हांणी आपलें पुराय आयुश्य लेखना खातीर ओंपलां म्हणल्यार अतिताय न्हय, ते पुर्तुगेज मुस्तींत निमाणें निमाणें दोन अडेच म्हयने बंदखणींत रावले. पूण हो तांच्या आयुश्यांतलो ब-यांतलो बरो अणभव थारलो.[४] आपल्या घरसंवसाराची पर्वा करीनासतना तांणी आपलें कर्तव्य समाजा खातीर केलां. तांच्या साहित्यांत समाजीक जागृताय दाखोवपी निबंध आसात. त्या निबंधांच्या कांय नमून्यांचो नियाळ घेवंया.

'आमी समाजांत बदल घडोवन हाडपाक फुडें सल्ल्यात. लोकांक बदल नाका आसतात. 'ठेवीलें अनंते तैसेचिं रहावें' हो लोकांचो सभाव. तातूंत बदल घडून आयलो म्हणटकूच तांकां आपल्या जिविताची घडी मोडिल्लेवरी दिसता. हे आमकां त्रासांत घलतात अशें तांकां दिसूंक लागता.[५] वयर दिल्ल्या अवतरणांतल्यान मनशान आपणें आसा तशेंच रावचें अशें समाजांतल्या मनशांक दिसूंक लागता. इतलेंच न्हय तर समाजीक नदरेन लेखका प्रमाण ह्या अवतरणांतल्यान "समाजाचे नदरेंतल्यान आपूण पडचो न्हय म्हूण मनीस सदांच जतनाय घेत आयला."[६] ह्या चिंतनांतल्यान रवीन्द्रबाब समाज जण एक मनशा पासत कितलो म्हत्वाचो आसा तें दाखोवन दिता. समाजांतल्या जण एका मनशाची इत्सा आसता आपूण ज्या समाजांत रावतां त्याच समाजांत आपल्याक मानाचो पाट मेळचो. देखून समाजाच्या नदरेन मनीस आपली पत सांबाळून दवरता. समाजीक नदरेंतल्यान पांडुरंगबाबांच्या निबंध संग्रहांत पुराय समाजाक केंद्र धरून निबंध कमी प्रमाणांत आसात पूण तीं समाजीक तत्वां चिंतनात्मक आशिल्ल्याचें जाणवता. देखीक पांडुरंग भांगीच्या उतरांचो संवसार ह्या निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण

" Sex आनी हिंसा हीच मातून आयल्या" [७]

Sex हो समाजीक विशय जाल्ल्यान तो समाजाचो प्रस्न जाता. आज समाजांत Sex विशीं कितें घडटा आनी कितें घडूं येता हाचो अदमास समाजांत रावतल्या मनशांक दाखोवपाचो यत्न लेखकान केला. Sex खातीर गोंयांत तर ना ना तरेचे गुन्हे जायत आसात. गोंयचो युवा वर्ग वायट मार्गाक लागता. Sex चो बाजार जाल्ल्यान समाजांत हिंसा वाडल्या.

बायल मनीस समाजांत कितली एकटी आसता. बायल मनशेन कितलीय जरी आपूण स्वावलंबी म्हणली जाल्यार लेगीत आमचो समाज पुरूष प्रधान. घोव नाशिल्ल्या बायलेक समाजा सामकारा वतना तरा तारांच्या प्रस्नांक जाप दिवची पडटा. घोव ना नोकरी ना अशे बायलेक तर समाजांत रावप सामकें कठीणूच आसता. ते खातीर अशे तरेच्या निबंध तत्वांचो आसपाव समाजीक निबंधांत जाता. तेच तरेन दत्ताबाब सुग्रीवा ह्या निबंधात लेखक मनशाच्या कुडीची सोबितकाय दाखोवन दिता. हो पूराय निबंध मनशाची मान ह्या उतरावयल्यान आसा. मानेची आख्यायिका वाचप्याक सांगतात. मानेची भास आनी मानेक लागून कितें जाता हें लेगीत सांगतना देखीक – "समाजाची मान कणटा तेन्ना हो सांकव मोडटा मागीर विचार करपी फक्त विचार करतात आनी वावर करपी फक्त वावर करतात. वावर आनी विचार, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान, जड आनी चैतन्य, ई (e) आनी एम.सी. स्क्वेअर(mc2) हातुंतलें समाकरम मागीर तुट्टा."[८] लेखक मानेक समाज ह्या प्रतीकाच्या रूपान समजणी दिवपाचो यत्न करता. तेच खातीर लेखक म्हणटा समाजाची मान कणटा तेन्ना सांकव मोडटा.

मुकेश थळीन समाजाची कशे तरेन दखल घेतल्या तें पळोवया. लेखकाचें चडांत चड बरप समाजाखातीर आसता. तांचो निबंध संग्रह वाचतना तांकां समाजांत चलतल्या वायट घडणूकांची चीड आशिल्ल्याचें पळोवपाक मेळटा. समाजांत जे जे प्रस्न आसात ते वेगळेच तरेन मांडपाचो यत्न तांच्या निबंधांत दिसता. आपले विनोदी वृत्तीचो वापर करून लेगीत समाजांत ते जागरूकताय हाडपाचो यत्न करतात. ह्या लेखकाचें साहित्य समाजाक संदेश आसात. मुकेशबाबान आपल्या 'वळेसर' ह्या संग्रहांत समाजाच्या प्रस्नांचेर उजवाड घातला देखीक - म्हारगायेचो प्रस्न नुस्तें आनी भाजी.[९] 'मनाचें प्रदूशण' ह्या निबंधांत प्रर्यावरणा विशीं जागरूताय केल्या. हातूंत पर्यावरणांतल्यान प्रदूशण कशें आळाबंदा हाडप हे पासत प्रस्न उप्रासायला. पूण दिसान दीस समाजांत मनशां मदें जें कामा निमतान तांच्या मनांत प्रदूशण जाता ताचेर

उजवाड घालपाचो यत्न लेखक करतात.[१०] ऑफिस समाजाचो घटक आशिल्ल्या कारणान. ऑफिसांतल्या कर्मचा-यां विशीं भासाभास केल्या आनी ऑफिसांतल्या जण एका मनशान जर प्रामाणीकपणान काम केलें जाल्यार समाजाची उदरगत जातली.[११] आपल्या मुखार कोणाक प्रमोशन मेळचें न्हय म्हण जे तरेचे पेच समाजांत चलतात तेय एके तेरेचें समाजीक प्रदूशण आसा. 'तृप्तीचो धेंकर' ह्या निबंधांत मंत्री फक्त ऑर्डर काडटा नळाच्या तजवीजे खातीर, पूण ज्या मनशाक तान लागल्या त्या मनशांची तान भागयना. तान लागिल्ल्या मनशाक नळ जाय आसता. सरकारी कार्यालयान फक्त समाजांतल्या सामान्य मनशाक पिडपाचीं कामां जाता. नळाचें कनेक्शन जर जाय आसत जाल्यार सरकारी कार्यालयांनी सामान्य मनशाक हजार फावटी मारपाक पडटा. शेवटाक कोणाक तरी पयशे खावन नळाचें कनेक्शन घेवचें पडटा. अशे तरेन सामान मनीस सरकारी कार्यालयाच्या राटावळींत सामकोच चिड्डता. हातूंतल्या सरकारी कार्यालयांत कितें घडटा ताचेर लेखक उजवाड घालपाक सोदता. कार्यालयांनी आनी मंत्र्यांलागीं हेच तरेचे प्रकार घडटात.[१२] म्हणल्यार सरकारी कार्यालयांनी आनी मंत्र्यांनी सगळीं कामां ऑर्डर काडपापूरतींच सिमीत आसतात हाचेर उजवाड घालपाचो यत्न लेखकान केला. 'तृप्तीचो धेंकर' हो निबंध विनोदी निबंध अशें वाचतां वाचतां दिसता. पूण ताचें खरें गूढ वेगळेंच आसता.

## ४.२ सैमीक निबंध

ज्या निबंधांतल्यान सैम नदरेक येता त्या निबंधांक सैमीक निबंध अशें म्हणटात. सैमांत सगळें पूर्ण आसता. संवसारांतली प्रत्येक वस्त वा मोनजात देवान फाव तशी रचल्या. देखीक- 'सैमांतलें मूळ तत्व पूर्ण. पुर्णांतल्यान पूर्ण जल्मा येता.' [१३] इतलेंच न्हय तर कीड मरतकच लेखकाक जाल्लो अहिंसेचो दिश्टावो. एक सुंदर दिसपी कीड पांयां पोंदा पडून मरता. त्याच खिणाक लेखकाक वायट दिसता. फूडें लेखक अशें म्हणटा- 'हिका अशी निर्मुपा खातीर सैमाक आपलें पुराय कौशल वापरचें पडलां.' म्हणल्यार सैमांत कितलीं अपरूपां आसात ताचेर लेखक लक्ष केन्द्रीत करता. तेच तरेन त्या अपरूपाची लेखक तोखणाय करता.[१४] फूडें "हांव पयलीं माती आशिल्लों. माती मेली आनी हांव वनस्पत जालों. वनस्पत मेली आनी हांव प्रणी जालों. प्राणी मेलो आनी हांव मनीस जालों." ह्या विचारांतल्यान लेखक सैमीक चक्र समजावपाचो प्रयत्न निबंधांतल्यान करता.[१५] सैमान सगळेंच सैमीक रितीन जाता. कित्याक तर देवान ताची

रचणूक त्याच तरेन केल्ली आसता. अशे तरेचीं सैमीक निबंध तत्वां लेखकाच्या साहित्यांत नदरेक येता. हाचे वेल्यान लेखकान केल्लें सैमीक निरीक्षण कितलें तीक्ष्ण आसा तें जाणवता.

पांडुरंग भांगीचो "उतरांचो संवसार" ह्या संग्रहांतलो 'माण्डवी तूं उठ' हो पुराय सैमीक निबंध आसा. हातूंत मांडवीच्या सरभोंवतणचें वर्णन दिसून येता. "तणान तुज्या पांयांकडेन आपली तकली बागोवन, तुजें उदक तीर्थ म्हणून घेतलां जातलें. सवण्यांनी तुज्या देगेर बसून आपल्या गोड आनी नकसूद ताळयान सोबीत बरीं म्होंवाळ गीतां गावन तुका येवकार दिला जातलो[१६]." लेखकान सैमीक निबंध बरोवन सैमाविशीं जागरूताय निर्माण केल्या. ह्या गजालींची जाणीव केल्या. मुकेश थळी हांच्या "वळेसर" ह्या निबंध संग्रहात दिसता. 'झाडां झाडांक मारिनात, जनावरां झाडांक मारिनात, बाबडीं सुकणीं झाडांचेर बसतात पूण झांडांचेर, सैमाचेर कविता करिनात. जळारां आनी हेर किडी मुयो इकॉलॉजीचेर आनी पर्यावरण संतुळाचेर लेक्चरां झाडिनात, पूण हांव मात स्वताच्या सुवार्थाखातीर रानांचीं रांनां बोडकीं करनां? कित्याक हांव मनीस; तकलेन फीन!' अशे तरेन लेखक सैमीक जागरूताय ह्या संवसारांत निर्माण कारतात.[१७] तेच तरेन "झाडांपेडां, सुकणीं, जळारां, मूस, जीव, वनस्पत आनी मोनजात हांकां प्रदूशणचो हुस्को ना. सोबित सुंदर सृश्ट आनी सैम आमीच हळशिकावणी करीत आसात."[१८] मनीस आपल्या स्वार्थापासत सैम दूशीत करीत आसा हाचेर लेखक लक्ष ओडपाचें काम करता. तेच तेरेन हातूंतल्यान लेगीत वनस्पत मोनजात हांचे विशींचे आपले विचार बरोवप्यान मांडल्यात. लेखक मनशांच्या दुशीत वृत्तींचो विरोध करता. हो पुराय सैम निर्मळ आनी पवीत्र. मनशां आधुनीकरणाखातीर कशे तरेन घाण करतात ताचेर लेखाकन उजवाड घालपाचो यत्न केला. तसोच "जिवीत आमचें सोबित" हो पुराय निबंध सैमीक आसा. हातूंत सूर्य उदेवपाची प्रक्रिया लेखकान सांगल्या. सुर्याची स्तुती करुन ताका चिरतरुण आनी चैतन्य दिवपी म्हणलां. ल्हवपीकपणान फुलपी गुलाबचें फूल सैमीक नेमाप्रमाण फुलता. हांगा लेखकान सैमाच्या प्रक्रियेची समजणी दिल्या. फूडें लेखक बाकिबाबांची कवीता "निळें निळें सवणें एक, सकाळच्या गो पारा, भांगराचीं घुंगरां बांदून आयलें म्हज्या दारा[१९]" ह्या गीताचो उगडास करून दिला. कित्याक तर सैमान पुरायेन भरिल्लें गीत हें. ह्या गीताचो उगडास लेखकान निबंधांत केला. सैमीक जागरूताय हाडपाक लेगीत ह्या गीताचो खूब म्हत्वाचो वांटो आसा. दर्यादेगेर घसघसपी ल्हारांचो फेंस आमच्या मनाक चंवर हाडटा.[२०]

## ४.३ संस्कृतीक निबंध

मनशां प्रमाण संस्कृतीचे नीत नेम थारतात. जे तरेन मनशाची वागणूक आसता ते तरेन मनशाची संस्कृती थारता. संस्कृतीचे नेम अजून कोणेंच थारायल्ले नात. जशी मनशांची वागणूक बदल्ल्या तसो संस्कृतीचो विस्तार जायत गेला. लेखक संस्कृतीचेर बयरयतात. लेखकांच्या प्रत्येक बरपांत संस्कृतीचो खंयना खंय तरी उल्लेख आसताच. लेखकान मांडिल्लीं कांय तथ्यां जाणून घेवंया. "आयज गावड्यांच्यो खबरी आयल्यो. संस्कृतायेचे नदरेन ते म्हाका संथाल गोंडां सारकेच दिसतात. आदिवासी उतराचो अर्थ 'मूळ' चे असो आसत जाल्यार गावड्यांक गोंयचे मूळचे लोक म्हणूं नज. गोंयचे मूळचे कुणबी. गावडे धवाड्यां वांगडाच गोंयांत आयल्यात. सामान्यतायेन आदिवासी समाजांतल्या हेर लोकां पसून पयस रावतात. सभावान अल्पसंतुश्ट आनी थोडे भोव आळशीय आसतात. तांचो आनी बाकीच्यांचो व्हडलोसो संबंद येना. गावडे आमच्या समाजांत सामके भरसून गेल्यात. तांकां समाजा पसून वेगळें काडूं नज. ह्या अर्थान गावडे आदिवासी न्हय. धर्माच्या नदरेन गावडे हिन्दू. जे क्रिस्तांव जाल्यात तेय आदले हिन्दू. हेर आदिवासी लोकां भशेन 'धर्म नाशिल्ले' अवस्थेंतल्यान ते क्रिस्तांव जावंक नात." [२१] ह्या अवतरणा वेल्यान गोंयच्या गावडी समाजाची संस्कृती आनी तांचें मूळ समजता. तेच तरेन "पुणून तांचीं तोंडां, नाकां, दोळे, केंस, कात पळेत जाल्यार ते संथाल गोंडां सारकेच दिसतात. तांचीं नाच गाणीं, जागर, भुतां-खेतांवेलो तांचो विस्वास, लग्न कारणां वेळा वेल्यो जांवं जल्म मरणा वेळा वेल्यो तांच्यो चाली रीती, तांचे घाडी बी सगळें पळेत जाल्यार ते आदिवासी न्हय अशें म्हणुंयेना. तांच्या खोंपींची तरा, दारां वणटी, माळे, वणटींत कोयती खोंवपाची तरा, बी गजाली पळोवन म्हाका वाल्यांच्या खोपींचो उगडास जाला. आनी हांव गावडेक पळेतां - तिची देंठली, गळ्यांतल्यो पिड्डुको, हातांतलीं कांकणां, रंगांची आवड आनी फुलां वेलो मोग पळेवन म्हाका दिस्ता, ही जात आदिवासियांची आसूंक जाय."[२२]

वयर दिल्ल्या अवतरणा वेल्यान सगळीं संस्कृतीक प्रतिकां सांगल्यांत तांचेर उजवाड घालपाचो यत्न लेखकान केला. ओथांबे निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण पळोवया "जियेवप संस्कृतायेचे वाडी खातीर. संस्कृतायेचीं आंगां दोन. एक भायलें. दुसरें भितरलें. वापरून वापरून गुळगुळीत जाल्ले भाशेंत सांगचें जाल्यार एक भौतीक. दुसरें आध्यात्मीक."[२३] अशे तरेन लेखक संस्कृतीची फोडणिशीं वाचप्याक करून दाखयता. मनशान आपलीं स्वताचीं तत्वां थारावचीं. स्वताक नेम घालून घेंवचें अशें लेखकाचे विचार.

'उशणे विचार घेतले म्हूण विचारांचें दळदीर ना जावपाचें ना. विचारांच्या वा संस्कृतायेच्या मळा वेलें दळदीर ना करपाचो एकूच उपाय आसा. आपणेंच स्वतंत्र रितीन जोडप. हीच जोड उपकारा पडपाची.'[२४] वयर दिल्ल्या अवतरणांतल्यान  मनशांनी स्वाताची संस्कृती स्वता जोडपाक जाय हाची समाजाक जाणीव करून दितात. लग्न ही सुसंस्कृत पद्धत आनी हिन्दू धर्मांत कन्यादानाची रित आसा ताच्या विरूद्ध लेखक आशिल्ले जाणवतात कित्याक तर ते हे तरेच्या रितीक 'रानवटी'[२५]  म्हणटात. पूण समाजांत सामान्य मध्यमवर्गी लोकां मदें ही पद्धत चड प्रचलीत आसा. ती लग्ना वेळार केली ना जाल्यार वा कन्यादान पद्धती आड कोणें जर कितें उलयलें जाल्यार लेगीत त्या मनशाक समाजांत स्थान ना अशे तरेची परिस्थीती समांजांत आसा. ह्या परिस्थीतीचेर लेखकान उजवाड घालपाचो यत्न केला. संस्कृती विशीं एक आधुनीक वा धर्मान आशिल्लोच विचार लेखकान ह्या अवतरणांत मांडला. इतलेंच न्हय तर 'समाश्रया' म्हणल्यार हे चाली प्रमाण, "जाका लग्न जावपाचें आसा तो न्हवरो आपणाक जाय ती व्हंकल सोदून काडटा आनी चलयेक आपूण मानवलो म्हणपाचें कळटकूच तो तिच्या बापायक वचून सांगता, 'हांव धर्म, अर्थ आनी काम जोडपा खातीर तुमचे धुवेचो आधार घेवंक सोदतां....'चलयेचो बापूय मागीर वासपूस करता - चलो कसो? कितें करता? कितें शिकला? आनी मागीर (तो मानलो जाल्यार, धुवेचें मत्त घेवन) ताका सांगता, ' धर्म, अर्थ आनी काम भोगतना तूं हिका अंतर दिवचो ना अशें उतर दी.' आनी चलो आपणाली जापसालदारकी वळखून 'नातिचरामि, नातिचरामि, नातिचरामी' असो तीन फावटी सोपूत घेता. उपरांतूच चलयेचो बापूय तांकां लग्न जावपाक मान्यताय दिता."[२६]

ही चाल जी काकासायब मानताले. ह्या लग्नाच्या चालीचो आदर करून तिचेर उजवाड घालपाचो यत्न लेखक करतात. तेच तरेन लेखक "लग्नाक एक धर्मीक संस्कार मानतात"[२७] तसो पुराय संस्कृतीक म्हायती दिवपी निबंध कमी. पूण गोंयच्या संस्कृतिची म्हायती ताच्या निबंधांत पळोवपाक मेळटा. देखीक दत्ता नायकाच्या जाय काय जूय? ह्या निबंध संग्रहांत, गोंयच्या हिन्दू धर्माविशीं म्हायती दितना तांच्यो सण परबो हांचेविशीं सांगलां. "म्हज्या भुरगेपणांत आमच्या घरांत बरेंचशें धर्मीक वातावरण आशिल्लें. फांतोडेर देवाकूड उगडटाली. देव उठटाले. सकाळ जाता म्हणसर भट येतालो. देवांक न्हाणयतालो. न्हेसयतालो. गंधफूल घालतालो. आरत दाखोवन पंचामृताचो निवेद्य दाखयतालो. घरांतल्या संगल्यांखातीर गाराणें

घालतालो. नवरात्रांत गुरूचरित्र वाचताले. कुलदेव लक्ष्मीनरशिंवाची चतुर्दस वाडटाले. जाण्टेल्यांचीं श्राद्धां आसतालीं. बायलांचे वार आसताले. समराधना आसताल्यो. श्रावणांत श्रावणी आयतार पुजताले. नागपंचम आनी मागीर गोकुळाष्टम जाताली. भाद्रपदांत चवथ आसताली. कार्तीकांत आमोरेर राजांगणांत तुळशीचें लग्न लागतालें[२८]." पुराय सण परबांची संस्कृती सांगपाचो यत्न केला. सिद्धपाचो नागावेलो भावार्थ हांगा ताच्या तोंडांतल्यान आदिम आनी आदिवासी संस्कृताय, तेच तरेन सिद्धपा प्रमाण नागाचें देवूळ ही भूंय आनी नाग ताचो भूंयदेव, राखणदेव, कुलदेव आनी ग्रामदेव हे तरेचीं उतरां "नागव्वाची काणी" निबंधांत पळोवपाक मेळटात.[२९] "लग्नाउपरांत तांकां कितलींशींच वर्सां भुरगीं जालींना. म्हण सिद्धपा आनी कावेरी यल्लमाची होरावणी करतात. नागदेवाक आंगवण करतात. ही, संस्कृताय हांगा दिसता." [३०] भारतीय संस्कृतींतलें खंयचेंच मंगल कार्य न्हालेबगर करूंक मेळना. देवाक लेगीत न्हाणोवपाची ही संस्कृताय. उदकाचें न्हाण. दुदाचें न्हाण. म्होंवाचें न्हाण. गंधाचें न्हाण. फुलांचें न्हाण. गोमटेश्वराच्या मारूतीक लोणयान न्हाणयल्लो आसता. ताका म्हणटातच माकन मारुती. शंकराचे पिंडीक उदकांत बुडोवन दवरतकीर पावस पडटा अशें हांगाची लोक संस्कृताय मानता."[३१] ह्या अवतरणांत जीं वेग वेगळीं न्हाणां सांगल्यात हे तरेचीं न्हाणां गोंयच्या समाजांत पोवपाक मेळटा. गोंयच्या देवळांनी देवाक न्हाणोवपाची पद्धत आसा. तेच तरेन हांगाचे लोक न्हाले बगर कसलेंच धर्मीक कार्य करना. अशे तरेन लेखकान निबंध साहित्यांत संस्कृती दाखोवपाचो यत्न केला, आनी ताचे फटालीं कारणां सांगल्यांत. पांडुरंगबाबान "उतरांचो संवसार" ह्या निबंध संग्रहांतल्यान शिवजयंतीचें खाशेलपण दाखोवपाचो यत्न केला. "आज शिवजयंती. गोंयांत न्हय, तर संबंध भारतांत मोठ्या दबाज्यान मनोवपाचो हो दीस" अशे तरेची संस्कृती दर्शावपाचें तत्व जाणवता.[३२] संस्कृती जण एका मनशाची वेग वेगळी आसता. ते पासत लेखक गोंयच्या संस्कृती विशीं कितें विचार मांडटात तें पळोवया. मुकेशबाब हांच्या निबंधांतलें हें अवतरण हातूंत ते 'गोंयच्या संस्कृतिक दायजा' विशीं थोडेभितर भासाभास करतात. "गोंयचें सांस्कृतीक दायज खूब व्हड, ताचेपरसूय गोंयची अस्मिताय म्हान, ताचेयपरस गोंयची सासाय खूब विशाल. मेरा गोवा ख-यांनीच 'महान' सगळ्यांत म्हान गोंयांत रावपी गोंयकार! मळबाची फोल केली, झाडांचीं पेनां केलीं आनी दर्यांचें तींत केलें तरी गोंयची आनी गोंयकाराची व्हडवीक बरोवन सोंपचीना"[३३]

## ४.४ इतिहासीक निबंध

लेखकान भूतकाळ आनी वर्तमान काळाची आपल्या बरपांतल्यान विस्कटावणी केला. ह्याच इतिहासाचे पुरावे लेखक आपल्या बरपांत बरयतात. इतिहासाचो उगडास दवरप गरजेचें कित्याक तर होच इतिहास आमच्या फुडाराची बुनयाद आसता. जण एका लेखकाक थोडी तरी इतिहासाविशीं आपुलकी आसा. म्हण आमकां बरें साहित्य वाचपाक मेळटा. लेखकान आपल्या तत्वांनी कितलोसोच इतिहास सांगला. लेखकाचें व्यक्तीमत्व कोंकणी भाशेचो एक इतिहासीक पुरावो आसा. रवीन्द्रबाबाकूय आमी चलतो भोंवतो इतिहास म्हणूं येतलें. "वेळे वयल्यो घुलो" ह्या निबंधांतले हें अवतरण "हांवें इतिहास वाचला ताचे वयल्यान दिसता, आर्य पयलेच हांगा आयले तेन्ना हांगा कितल्योश्योच संस्कृतायो नंदताल्यो जावंक जाय"[३४] अशे तरेच्या पुरातन काळांतलो इतिहास सोदपाचो तांच्या लेखनांत प्रयत्न दिसता. ह्या विचारा वेल्यान लेखकाच्या निबंधांत ऐतिहासीक संशोधन नदरेक येता. फूडें रवीन्द्रबाबाल्या "ओथांबे" निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण-"पंदरा ऑगस्टाक देश कित्याक लागून आनी कसो स्वतंत्र जालो ही एक धारा. आनी, स्वतंत्र जायना फूडें स म्हयन्यां भितर ती स्वतंत्रताय हाडून दिवपी महात्मा गांधीक आमी कित्याक लागून आनी कसो व्हगडावन बसले"[३५] ह्या विचारावेल्यान लेखक ऐतिहासीक विचार दिताच पूण तेदे वेळावेल्या राजकी घडणूकांचें षडयंत्र नदरेक हाडून दितात. कित्याक तर म्हात्मा गांधीन अहिंसेचो संदेश पूराय देशाक दिल्लो. हो संदेश हांगा रावतल्या लोकांनी योग्य रितीन पाळूंक नाशिल्ल्यान म्हात्मा गांधीक आमी व्हगडावन बसल्यात हाची जाणवीकाय लेखक हांगा करून दितात. तेच तरेन पूराय देशांत भ्रश्टाचार जाल्ल्यान हांगा लोकांमदें गून्हे जावपाक लागल्यात. अशा राजकी भ्रश्टाचाराच्या षडयंत्राची लेखक ह्या अवतरणांतल्यान जाणीव करून दितात.

मांडवी तूं उठ ह्या निबंधांत हो उलो मांडविक मारिल्ल्याचो दिसून येता. तातूंत मांडविक हांगा जाल्ल्या ब--या वायट घडणूकांची जाप विचारताना तातूंत गोंयच्या इतिहासाचेर उजवाड घातला. देखीक पांडुरंगबाबांच्या, "उतरांचो संवसार" ह्या निबंध संग्रहांतले हें अवतरण 'राष्ट्रकूट सम्राटाच्या पराक्रमांची घुडी उबारपी गोंय, आपल्यापणाच्या अभिमानान फुल्लेलें, भाग्यवंत आनी शिरवंत गोंय तुगेल्या भुयेंत वशिल्लें पळोवन तूं मनांतल्या मनांत खोशेली जातली. आनी सांज सकाळ कदंबाच्या रावळा मुखावेल्या शेज्यावेल्यान पराक्रमाची स्फूर्त देण्या चौघुड्याचो नाद, धाय दिशांनी फांकारून, तांचो पडसाद तुज्या

वळणा वळणांतल्यान गाजला जातलो.'[३६] गोंयात जायते राजकर्ते येवन गेले. ह्या राजकर्त्यांचो पराक्रम गोंयच्या भुयेंचेर गाजयल्ल्याचो लेखक हांगा सांगपाचो यत्न करता.

शिवाजी ही इतिहासीक व्यक्ति आशिल्ल्यान तांचेर लेखकान चिंतनात्मक बरप केलां ताचेर उजवाड घालया. 'शिवाजी जन्माक येवंक नाशिल्लो जाल्यार स्वराज्य हें उतरय जन्माक येवचें नाशिल्लें. स्वराज्य ह्या एकाच उतराखातीर शिवाजीकडेन आमी कृतज्ञ रावपाक जाय[३७].' शिवाजी स्वराज्या खातीर फिरंग्या लागीं झुजला. ते पासत शिवाजी आनी स्वराज्य ह्या उतराचो संबंद दाखोवपाचो यत्न लेखकान केला. अशे तरेचीं तत्वां इतिहासीक निबंधांच्या रूपांत पळोवंक मेळटात.

मुकेशबाबांन इतिहासीक व्यक्तिच्यो देखी दिल्यात. मार्गारेट थॅचर आनी इंदिरा गांधी ह्यो दोनूय इतिहासीक व्यक्ती. दोगय प्रधानमंत्री आशिल्ल्यो. तांकां शब्दाळयांची निस्सीम भक्ती आशिल्ली.[३८] ह्या निबंधांत तांणी शब्दाळयाचो इतिहास सांगला देखीक मुळाव्या स्वरुपाचीं शब्दाळीं सगळयांत पयलीं खंयच्या शतमानांत आयलीं. तांची लोकप्रियता कशी वाडली. मागीर दिसपट्टें सदर जालें. हाच्या उपरांत पयलें शब्दाळयाचें पुस्तक खंयचे अशे तरेच्या इतिहासाचेर भासाभास केल्या.[३९] अकबर बिरबल गोंयां ह्या निबंधांत दोन इतिहासीक व्यक्तीत्वां विशीं बरप जालां.[४०]

## ४.५ राजकीय निबंध

लेखक स्वता स्वतंत्रतायेच्या झूजांत पडिल्ल्या कारणान, तांच्या साहित्यांत चडांत चड राजकीय प्रसंग वाचपाक मेळटात. "गोंय मेकळें जावंक नाशिल्लें ते मेरेन दर वर्सा पंदरा ऑगस्ट आयलो म्हणटकूच हांव उपास करतालों. म्हजें म्हाकाच उगडास करून दिवपाक, हांव अजून स्वतंत्र जांवक ना म्हण...गोंय स्वतंत्र जायना ते मेरेन हिंदुस्तानाक 'पूर्ण स्वराज्य' मेळळां अशें म्हणूंक येवचें ना हाचोय उगडास जावचो म्हूण." रवीन्द्रबाब अशेतरेचे विचार निबंधांत मुखेलपणान मांडटात.[४१] फूडें ही देख पळोवया "राजकर्णा सारक्या चरित्रहीन मळार कोणूय चरित्रवान फुडारी दिश्टी पडलो, भ्रश्टाचारांत बुडिल्ल्या प्रशासनांत कोणूय पयशाक लेगीत हात लायना असलो निर्मळ चिटणीस ब्युरोक्रॅट पळोवंक मेळ्ळो जाल्यार आयजूय आमकां ताचे विशीं आदर भौमान दिसता."[४२]

भ्रश्टाचारांत बुडिल्ले प्रशासक आनी ब्युरोक्रॅट म्हळ्यार (प्रशासनाच्या नेमाक धरून चलपी) अशे तांचे विचार निबंध लेखक मांडटा. घडये हे विचार वाचून वाचप्याक ब-या वायट गूणांची वळख जांव येता. ह्या राजकीय निबंध तत्वांची उडटी नदर पळोवपाक मेळटा. ज्या राजकी घडणूकांचो लेखकान आपल्या जिणेंत आस्वाद वा अणभव घेतला तेच विचार निबंधांत नदरेक येतात.

'सादिका' ह्या निबंधांत चड न्हय पूण मातशें राजकारण दिसून येता. लेखकान सुंदर आनी कुशळतायेन ह्या निबंधांत राजकारण मांडलां. 'सफदर आनी सादिका दोगांय मार्क्सवादी तत्वाज्ञानान पेटून गेलीं. कम्युनिस्ट पार्टीचीं मेंबर जालीं. विद्यार्थी चळवळींत वांटो घेवंक लागलीं.'[४३] 'रानांतल्या उज्याभशेन हल्ला बोल दिल्लीच्या सरभोंवतणी पातळ्ळें. राजकी पक्षांक सफदराच्या पथनाट्यांतलो उपहास उस्त-यां वचूंक लागलो.'[४४]

राजकारणाचेर तसो पुराय निबंध कमी पूण मोटव्या स्वरूपाचो विचार आयला. स्वतंत्र जावन पंचवीस वर्सां जालीं तरी कसलीच उदरगत ना. हातूंतलें एक वाक्य पळोवंया 'आमच्या पाड्या नशिबान ह्या देशांतले विचारवंत लाचार आनी पोटार्थी जाल्यात. राजकारण म्हणल्यार ह्या देशांत एक धंदो जाला.'[४५] अशे तरेचीं राजकीय तत्वां नदरेक येतात.

आज राजकारण म्हणल्यार पयसो करपाचें साधन जाला. ह्या संवसारांत असो एकूय मनीस मेळचोना जो राजकरणाचें सपण चडूंक ना. ह्या राजकारणाविशीं निबंध संग्रहांत जेन्ना विचार येता तेन्ना तो असो आसा. "राजकारण म्हणल्यार संडास कसो, तो कोणाक चुकना. राजकरणांत पडचें काय ना, हें जण एकल्यान थरावचें. पूण त्या कोंडांत पडपाचें आसल्यार लज भीड, नीत, तत्वां सगळें गुठलावन तातूंत पडचें. तूं राजकारणांत पडना जाल्यार तें तुजेर पडटले."[४६]

## ४.६ भाशेविशीं निबंध

लेखकान कोंकणी भाशे खातीर काम केलांच पूण हेर भाशांविशीं आवड तांच्यांत आशिल्ली हेंय जाणवता. देखीक हो विचार पळोवया- "बंगाली भास जे मेरेन संवसाराचे फाटीर उरतली ते मेरेन रवीन्द्रनाथ

उरतले."[४७] अशे तरेच्या तथ्यान भाशेचो परजळीत मोग लेखक आपल्या उतरांनी करतात. भास खंयचीय आसली तरी भाशेचो विद्रोह केन्नाच करचो न्हय. दुस-या भाशेविशीं लेखकाचे राष्ट्रीय सत्यनिश्ठतेचे विचार निबंधांनी पळोवपाक मेळटा. कोंकणी भाशेंत बरयतना तांणी कोंकणी मनशांक उपदेश केला. कोंकणी भाशेक कितें कितें करपाक जाय तें सांगलां. 'बरयतना जतनाय तकालस येवपाक जाय, भुरग्याभशेनच तिका आंगा खांदार खेळोवची पडटली, अनन्य भक्तीन तिची सेवा करची पडटली.' अशे तरेन भाशेचो मोग आशिल्ल्यान तिची कशी वाड करची हाचेर विचार हातूंत मांडल्यात.[४८] भाशेच्या खाशेलेपणाचेर बरयतना ते म्हणटात 'भाशेंतल्या प्रत्येक शब्दाक आपलो रंग आसता, कोशकार तो रंग जिवो करूंक पावनात' कित्याक तर तो शब्द त्या भाशेचो मुळावो शब्द आसता.[४९] भाशा ही मनशाच्या जिणेंतलो म्हाप्राण. हो प्राण जितो उरूंक जाय ते खातीर लेखकान भाशेविशीं बरप केलां. भाशा म्हणल्यार मनशांचो जीव. खंच्याय मनशाक भाशा ना जाल्यार तो उलोवंक शकना. भाशेचेर भासाभास करतना ह्या निबंध संग्रहांत कितें विचार आयल्यात तें पळोवया.

जाणकार - २ ह्या निबंधांतले देखींत - "तूं समज तुजीं भूरगीं तुजीं न्हय, संस्कार करपाचे दीस गेले!, तांणी कितें करप, कोण जावपाचें हें ताचें तांकांच थारावं दी. आपली आवयभास, देव, हें तूं तांकां शिकोवं नाका." ह्या वाक्यांत लेखक आवयभाशेचेर उजवाड घालतना नदरेक येता. ह्या संग्रहांत भाशेचो उल्लेख मेळटा, पूण भाशेचेर निबंध रचना कमी आसा.[५०] कोंकणी भाशेचेर उजवाड घालतना "अकबर-बिरबल गोंयांत" ह्या निबंधांत अकबर-बिरबलाच्या संवादांतल्यान लोकांक कोंकणी भाशेची तांक दाखोवपाचो यत्न केला. म्हत्व पटोवन दिलां. देखीक ह्या निबंधांतलो हो संवाद पळयात "कोंकणी घटनेचे आठवे वळेरेंत पाविल्ल्यायान कोंकणीक कितें फायदो जातलो अशें तुमकां दिसता? - राजा. कोंकणीक आठवेच किद्याक, सोळावे वळेरेंत लेगीत व्हरपाची तांक आमचेकडेन आसा....

राजा चक्रावलो. ताणें मदींच म्हळें, पूण सोळावी वळेरी म्हळ्यार..."[५१] अशे तरेचे संवाद थोडेशे हास्यास्पद आशिल्याचें जाणवता पूण अशे तरेच्या संवादांतल्यान कोंकणी समाजाची बेफिकीर वृत्ती दाखोवपाचो यत्न लेखकान केला. कोंकणी मनीस आपलेच भिरकेंत आशिल्ल्याचेंय हांगा जाणवता.

## ४.७ वर्णनात्मक निबंध

निबंध संग्रह वाचतना लेखकान वर्णनात्मक पद्धती वापरल्या हें जाणवता. लेखकान कांय कडेन आपल्याक फाव जाता थंय अशा तरेचो प्रकार वापरला. देखीक - "केदारनाथाक रातचो पाविल्लों. चान्नें पीठ कशें पातळ्ळेलें आनी शीं आकांताचें पडिल्लें. हांव धर्मशाळेंत कामळी पांगरून आड पडिल्लों."[५२] अशे तरेच्या देखींत लेखकाची वर्णनात्मक शैली नदरेक येता. 'मांण्डवी तूं उठ' हो पुराय निबंध मांडवी न्हंयेच्या वर्णनान नटिल्लो आसा.[५३] हातूंतल्यान वाचप्याक मांडवी न्हयची लांबाय, रूंदाय आनी खोलाय घेवप सोपें जाता अशे तरेचो हो वर्णनात्मक निबंध आसा. दनपार आनी रोजां हे निबंध वाचल्यार तातूंत केल्ल्या वर्णनावेल्यान हे निबंध वर्णनात्मक अशें जाणवता. दनपार ह्या पाराची पुराय म्हायती ह्या निबंधांत दिल्या. तेच तरेन तिचीं वेगवेगळीं रूपां हांगा दाखयल्यांत.[५४] 'रोज' हें दिसपाक सादें फुल पूण ह्या फुलाची लेखकान पुराय म्हायती दिल्या. खंयच्या म्हयन्यांत फुलता. रोज फुलता तेन्ना कितें जाता. फूडें ताचो मोटव्यांत इतिहास सांगला.[५५] जनेलांचें जग ह्या निबंधांत जनेल आनी दाराची तुळा केल्या तेच तरेन जनेलाची पुराय म्हायती ह्या निबंधांत दिल्या. 'जनेल ही स्वताच आसता एक अस्तुरी. देखून जनेलांक नटूंक थटूंक आवडटा. हारशाचे, शिपयांचे, रंगीत कपड्याचे, तारातरांचे भेस घालून जनेलां नटतात. भुमितींतले सगले आकार जनेलाक मानवतात[५६].' अशे तरेन जनेलांचेर हो निबंध वर्णनात्मक निबंध अशें जाणवता. लेखकान "मेरा गोवा महान" हो वर्णनात्मक निबंध रचला. हातूंत लेखकान पूराय गोंयचें वर्णन केलां. गोंयांत कितें कितें आसा तें ह्या निबंधांत सांगलां. थोडो भोव गोंयच्या इतिहासाचो उल्लेख केला.[५७] गोंयांत कितले म्हाल आसात तें सागलां. गोंयकारांक वेग वेगळ्या मळांवयलीं रूपां दाखोवन दिल्यांत देखीक साहित्यीक, संगीतकार, नाटककार, तियात्रिश्त, आदवोगाद, दोतोर, इंजनेर, पत्रकार, राजकारणी, वेपारी, बिझनेसमॅन, क्लबाचो सेक्रेटरी, संस्थेचो अध्यक्ष आनी अशीं साबार रूपां वाचका मुखार मांडल्यांत.[५८] तेच बरोबर नाटककार, दिग्दर्शक आनी स्वतः अभिनय करपी नट आसूं येता हेंय सांगलां. गोंयचें सांस्कृतिक दायज खूब व्हड, तांतूंतल्यान गोंयची महान अस्मिताय दिसून येता. त्याच अस्मितायेंतल्यान विशाल सासायेचें दर्शन घडटा. [५९]

## ४.८ संस्मरणात्मक निबंध

आपल्या उगडासांत आशिल्लें वा खंय तरी वाचिल्लें पुस्तक. लेखक आपल्या बरपांत बरयता. ताचीच एक देख अशी आसा. "विनोबान खंयतरी म्हळां अहिल्या शिळा जावन पडिल्ली. कितल्याश्याच जाणांचे पांय हे शिळेक लागिल्ले. पुणून रामाचो पांय लागलो तेन्नाच तिचो उद्‌धार जालो"[६०] आपल्या संस्मरणातली गजाल ते हांगा सांगतात. रवीन्द्रबाब मल्लिकजींचो उगडास काडटना तांच्या सांगिल्ल्या कांय गजालींचेर उजवाड घालतात. मल्लिकजी शांतिनिकेतनांत रावताले तेन्नाचे उगडास ते सांगतात. तांणी एकदां गुरूदेवांचें गीत न्हातना म्हणिल्लें तें आयकून गुरूदेव बाथरूमाचें दार धाडावन म्हणपाक लागले' आपल्या गिताचो असो खून करता[६१]' तेन्नाच्यान ते ताचें गीत गायनासले. असले तरेचें संस्मरण दिसून येता. ह्या चिंतनांत लेखक फाटले मुस्तींतली खबर सांगता. आपल्या इश्टाच्या घरा गेल्ल्या वेळार आपल्या स्मरणांत आशिल्ली गजाल सांगतात.[६२] ह्या चिंतनांत लेखक मेळूंक गेल्ल्या एका म्हाता-या मनशा विशीं संस्मरणांत आशिल्ली गजाल ह्या चिंतनांत सांगतात. "ताणें हें सगळें केलां हें हांव जाणां. आनी जें केलां तें खूब केलां हेंय जाणां. पुणून हो कांय म्हातारो जावूंक ना."[६३] आपल्या संस्मरणांत आशिल्ली गजाल लेखक सांगतात. देखीक "जायते खेपो मिरामार वचून आमी थंय रेंवेर अस्तमेक वतना मळबाचेर खिणाखिणाक जे रंग बदलताले ते आमी अप्रूपान पळेल्यात[६४]." अशे तरेन आपल्या यादिंच्या तिजोरेंतले विचार आमचे मेरेन पावयतात. "नागव्वाची काणी" ह्या निबंधांत लेखक आपल्या संस्मरणांत आशिल्ली काणी सांगतात म्हणटकच हो निबंध संस्मरणात्मक जाणवता. ह्या निबंधांत कांय वर्सां[६५] ज्या निबंधांतल्यान फाटल्या यादींचें दर्शन घडटा त्या निबंधांक संस्मरणात्मक निबंध म्हणूं येता पूण, मदाचें दुर्येस ह्या निबंधांत मुकेश थळीन संस्मरणांत आशिल्ली गजाल आपल्या इश्टाक सांगल्या ती पळोवया. 'हांवें ताका सांगले - फाटल्या दिसांनी मुंबय एक परिक्षा दिवपाक गेल्लों. ठाण्याक मामागेर गॅलरींत एक जिवाणें सळसळत वतना हांवे पळेलें. आठ दीस थंय रावलों खरो, पूण खातना, जेवतना, उठठ्‌ना, न्हिदतना तें जिवाणें येत म्हूण दुगदूग उरली[६६]. 'एखादी स्मरणांत आशिल्ली जिवाण्याची याद लेखकाक भिवयता. इतली घट याद त्या जिवाण्याची स्मरणांत आशिल्याचे जाणवता.

## ४.९ भावनीक निबंध

निबंध बरयतना केन्ना केन्ना लेखक भावनीक जाला अशे तरेच्या निबंधाक भावनीक म्हणूं येता. 'भैया बच्चे को कुछ दो' एक आवाज कानार पडलो. एकली बायल मनीस एका शेंबड्या पोराक हाण्डीर घेवन भीक मागताली. पाड पडलें हिगेलें. जिस्त जेवपा वेळार आयल्या. हांवें मनांत म्हळें काळीज घट्ट करून तिका आगे जाओ, म्हळें आनी हांवें जनेल धांपून घेतलें. पूणून, उंडी ताळ्या सकल वचूं नाका? ती कशीच वचना जाली. खीणभर घुस्मटलों. मनांतल्या मनांत हांवें म्हाका खेत्शिलो. म्हळें, हावें अशें करपाचें न्हय"[६७] ह्या अवतरणांतल्यान लेखक समाजांतल्या गरीब मनशांविशीं सांगपाचो यत्न करता. खावपाक कांयच नाशिल्ल्यान हे लोक भिक मागता एका खिणाक आमी तांचेर आडतात पूण ताचो पच्छताप लेखकाक मागीर जाता. जर ती बायल गरीब नाशिल्ली जाल्यार भिक मागची नाशिल्ली. "तांची दुख्खां म्हजीं दुख्खां जालीं. पांच - सात दिसांनी पुस्तक सोंपलें तेन्ना हांव हुंदक्या हुंदक्यांनी रडलों."[६८] रवीन्द्रबाब साहित्यीक आसात पूण ते भावनीक आशिल्ल्याचें तांच्या निबंधांतल्यान जाणवता. ही भावना ते आपल्या लिखणेंतल्यान वाचप्या मेरेन पावयतात. भावना कोणाक आसना? संवसारांतल्या जण एका मनशाक वा मोनजातीक भावना आसता, फक्त योग्य वेळ सादून भावना काळजाच्या धडेर येवन रावता. लेखकाच्यो भावना ह्या निबंधांत जाणवतात. देखीक - "आज पंडित गेलो. कॅनसरान जर्जर जाल्लो तागेलो जीव, सासणाची न्हीद न्हिदलो. आनी आमचो विशेक वर्सांचो सांगात आयच्यान तुटलो."[६९]

तसो भावनीक निबंध "नागव्वाची काणी" ह्या निबंधांत भावना दिसून येता. ब्राह्मण आपय नासतना सिद्धपाक आपोवप आनी सिद्धपा आपले बायले भुरग्याच्या काळजेन जेवणाची शिरती कवळून घरा वता. त्या वेळार ताका घरा वचून पळोवप ही भावनीक काळजी ह्या प्रसंगांत दिसून येता. तेच तरेन सिद्धपा संवसारांत अंतरल्या उपरांत ताच्या बायलेक आदार दिवन तिची गांवांत वचपाची तयारी करप. हो संवाद पळोवया 'सिद्धपा, तूं बरो जातलो. फाल्यां हांव वैजाक घेवन येतां. तूं कांय भिवूं नाका'[७०] मंदार - ह्या निबंधांत मंदार मरतकच एक तरेचो कळवळो हांगा जाणवता. 'परीजात, गौतम, विनता, नम्रता, जास्मिन आनी जेनिफर सदचेभशेन दारांत जमतात. शाळेची बस येता आनी तांकां व्हरता. त्या भुरग्यांमदीं मंदार नासता. म्हजो माणकुलो इश्ट मंदार[७१] सादिका - सादिका दिल्लींत मेळ्ळ्या उपरांत तें आपल्या भावाची

कथा सांगता. सफदर हो सादिकाचो भाव पूण तो ज्यो चळवळी करतालो त्यो राजकी लोकांक उस्त-यां वचपाक लागल्यो. हे खातीर ताका आपलो जीव व्हगडावचो पडलो. हें आयकून दोन मनशांचें समदुख हांगा दिसून येता. फाटल्यो यादी याद जाल्ल्यान लेखक हांगा भावनीक दिसून येता. आनी शेवटाक तो म्हणटा 'सादिका, मेरी भी एक बहन थी! मेरे बचपन में वो चल बसी!अगर वो जिंदा होती तो बिलकुल आप जैसी होती.'[७२] समथिंग इज मिसींग इन युवर हाव्स. घर पळोवपाक आयिल्ल्या सोयरेक घरांत सगळें दिसता पूण एक गजाल नासता ती म्हणल्यार कुत्रो. ते खातीर ह्या निबंधाक समथिंग इज मिसींग इन युवर हाव्स. कुत्र्या बाबतींत लेखक ह्या निबंधांत भावनीक दिसता. लेखकाचो भुरगेपणांतलो इश्ट हेमू ताच्या पासून सासणाचो पयस वता. अशे तरेची भावना ह्या वाक्यांतल्यान दिसता.. 'ह्या अनंताच्या सान रुखापोंदा म्हजो भुरगेपणांतलो इश्ट हेमू, ताका पुरला आनी ताचेबराबर म्हजें भुरगेपणय हांगा पुरुन दवरलां.' फूडें लेखक म्हणटात 'कुत्र्याच्या मर्णापरसय कुत्रो सांडिल्ल्याचें दुःख कितलें खर तें हांवें ल्हानपणांत अणभवलां.'[७३] मदाचें दुयेंस ह्या निबंधांत अहंकार, गर्व, मद, तोरो, ताठो, अभिमान आनी मिजास[७४] हे सगळे भाव एकाच निबंधांत दिसून येतात. फूडें 'मोग आनी गिन्यान' हातूंत मुकेशबाबान मनशांच्या काळजांत घडटल्या भावनीक विचारांचें विश्लेशण केलां. गिन्यान आनी मोग, मन आनी अंतस्कर्ण हांचे मदलें द्वंद्व पळोवन हो भावनीक निबंध आसा अशें जाणवता.[७५]

## ४.१० कले बद्दल निबंध

लेखकाक जर कले बद्दल मोग आसा जाल्यार तो तांच्या निबंधांत दिश्टी पडटा. देखीक - 'मनीस एकलो आसता तेन्नाच कितेंय निर्माण करूंक पावता. सृजनाची प्रक्रिया एकल्याचे जाणविकेंतल्यान सुरू जाता आनी एकलेपणांतूच पूर्ण जाता[७६]." कले बद्दल ह्या निबंध संग्रहांत जो विचार दिसून आयला. तातूंत कविता आनी कलेचो बेस बरो सुमेळ दाखयला. पयलीं म्हणल्यार कवितेचो कलेंत आस्पाव केला. कलेक जें तंत्र वा नेम लागू जातात ते कवितेक लागू केल्यात. कला ही सामाजीक हेतू खातीर नासता पूण तातूंतल्यान समाजांत परिणाम जांव येता हाचेर उजवाड घातला. फूडें कविते बद्दल सांगलां - "कवितेंत उतरांचो कल्लोळ, संवेदना, रूप आसता, ती येता जोगूल घेवन, गूढ, ताचो गाभो घडये हाताक लागूं येता,

घडये लगनासताना तसोच उरता[७७]." अशे तरेन पांडुरंग भांगीन कलेची समजणी दिल्या. 'कलाकार, साहित्यीक, गायक, विद्वान आनी विज्ञानीक'[७८] अशे तरेन 'मदाचें दुयेंस' ह्या निबंधांतल्यान लेखकान केलेबद्दल महत्व दाखयिल्लें नदरेक येता. निबंधांत उल्लेख केल्ले कलाकार हांचे बद्दल निबंधांत बरप दिसून येता, पूण लेखकान कलेक म्हत्वाची थारावन निबंध कमी रचल्यात.

## ४.११ समीक्षात्मक निबंध

लेखकांनी बरयल्ले निबंध समीक्षात्मक कमी पूण तांणी रचिल्ल्या निबंधांत समीक्षात्मक तत्वांचो आसपाव आसा. "भुरग्यां खातीर बरयल्लें एक पुस्तक हें अशी छाप पडिल्ली मनाचेर ताची. चाळीस पंचेचाळीस वर्सां पयलीं वाचिल्लें. आतां हे उतार पिरायेर परतें हातांत घेतलें तेन्ना कळ्ळें, हें फक्त भुरग्यां खातीर बरयल्लें पुस्तक न्हय[७९]." कांय पुस्तकां पयलींच वाचता तेन्ना तांचेर तितलो विचार जायना, पूण काळांतरान विचारांची प्रगल्भता येतकच बरपांत अशे तरेचे विचार येतात. तेच विचार रवीन्द्रबाबांच्या साहित्यांत नदरेक येतात. अशे कांय समीक्षात्मक अंश रवीन्द्रबाबांच्या साहित्यांत नदरेक येतात.

मेरा गोवा महान हातूंत लेखक गोंयच्या लोकांक संबोधुन तांकां समीक्षा वाचपाक वेळ मेळना म्हण खंत उक्तायता. तशे ताचे समीक्षात्मक निबंध नात. देखीक, 'समीक्षा वाचूंक वगत मेळना गोंयकाराक[८०]' अशे तरेचे विचार 'मेरा गोवा महान' ह्या निबंधांतल्यान लेखक गोंकारांक समीक्षात्मक निबंधांचे कांयच पडून गेल्लें ना, गोंयचो समाज आपल्याच साहित्याच्या धुंदेत आसा तें अशे तरेचे विचार मांडून नदरेक हाडटा.

## ४.१२ भोवंडेवर्णनात्मक निबंध

"पयर वाराणसी पावलों. वाराणसीकूय एक राजघाट आसा. थंय सर्व-सेव-संघाचे कॉलनींत एकल्या इश्टागेर रावलों".[८१] मनीस भोंवडेर आसतना त्या मनशांक जायते अणभव येतात. अशेच तरेन रवीन्द्रबाब वाराणसीचो अणभव निबंधांत मांडटात.

ह्या निबंधाक प्रवासवर्णनात्मक लेगीत म्हणटात. 'गोलघुमट' हो निबंध भोवंडेवर्णनात्मक निबंध अशें म्हाका दिसता कित्याक तर 'गोलघुमट लागींच्यान पळोवचो आनी मागीर पयस वचचें. सोलापूर-विजापूर रस्त्याचेर

थामचें. पयसुल्यान गोलघुमट पळोवचो. ना जाल्यार मार्गशीर्षाच्या शिंयाळ्या दिसांनी विजापूर वचचें. उमाशेचे रातीउपरांत मळबांत बीजेचो चंद्र उदेलो म्हणटकीर मध्यान रातीक एकट्यानच गोलघुमटाकडेन वचचें. पयस फातरीर बसचें आनी काळखांत अळंग घोळयल्ल्या लेव चान्यांत गोलघुमटाचें शिल्प तोखेवचें[८२].' अशे तरेन हातूंत पुराय गोलघुमटाची म्हायती दिल्या.

## ४.१३ धर्मीक निबंध

ह्या देशांत जायते धर्म आसात. पूण खरो धर्म हो मनीस धर्म आसा. तशेंच लेखकान धर्माविशीं आपले विचार दिल्यात तें पळोवया. "धर्माक उबगल्ले लोक अध्यात्मूय सोडून दितात. धर्म आनी अध्यात्म एक न्हय. अध्यात्म आमकां आमी कोण, हो संवसार कितें, संवसाराचो आनी आमचो संबंध कितें, हें सांगता आनी जिविताचे खोलायेंत वतात. अध्यात्म तत्वज्ञान. धर्म कर्मकांड.[८३] 'ईश्वराक कोणें जगदीश म्हळां कोणें राज-राजेश्वर. कोणें संवसाराचो धनी म्हळां. ईश्वराक कितल्या-शा नांवांनी लोकांनी उलो मारला.' अशी समजणी दिवन फूडें वेदीक परंपरेंतली एक प्रार्थना दिल्या.

नम इन् उग्रं नम आ निवासे

नमो दाधार पृथिवी उत् दयाम. ताचो अर्थ असो दिला. नमळायूच व्हड. हांव नमळायेची उपासना करतां, नमळायेनूच धर्तरी आनी स्वर्ग आंगार घेतल्यात.[८४] धर्म समाज घडयता जाल्यार सगळ्यांनी हांगा माये मोगान रावपाक जाय. तेच तरेन 'अन्याय दिसना फूडें उसळूंक जाय, म्हुण एकल्याय धर्मान शिकयला व्हय?'[८५] ह्या संग्रहांत धर्मीक निबंध ना. पूण धर्माची म्हायती दिल्या. देखीक -(नागव्वाची काणी) ह्या निबंधांतलीं कांय वाक्यां पळोवया. - "म्हज्या भुरगेपणांत आमच्या घरांत बरेंचशें धर्मीक वातावरण आशिल्लें. फांतोडेर देवाकूड उगडटाली. देव उठाटाले. सकाळ जाता म्हणसर भट येतालो. देवांक न्हाणयतालो. न्हेसयतलो. गंधफूल घालतालो. आरत दाखोवन पंचामृताचो निवेद्य दाखयतालो. घरांतल्या सगल्यांखातीर गाराणे घालतालो. नवरात्रांत गुरूचरित्र वाचतालो. कुलदेव लक्ष्मीनरशिंवाची चतुर्दस वाडटाले. नागपंचम आनी मागीर गोकुळाष्टम जाताली. भाद्रपदांत चवथ आसताली. कार्तिकांत आमोरेर राजांगणांत तुळशींचें लग्न लागतालें."[८६] हातूंतल्यान गोंयचो हिन्दू धर्म दिसता.

मुकेशबाबाले ह्या संग्रहांत तशे धार्मीक निबंध दिसून येनात पूण 'हालींसाराक गोंयांत भौशीक गणेशोत्सवाची धाम पातळ्ळ्या[८७]' तशें धर्मीक वातावरण आसून लेगीत लाऊडस्पीकरांचो घणघण[८८] पळेतकच भक्ती म्हणल्यार कितें हे विशीं दुबाव दिसून येता. हे उत्सव धर्म वाडोवपाखातीर आनी जपपा खातीर आसतात पूण मुळांत चित्र वेगळेंच आसा. कित्याक तर देवाच्या नांवान लाऊडस्पीकर लावन लोकांक त्रास करतात. तेच तरेन जंय धर्मीक कार्य आसता थंय पूजा अर्चना कमी आनी लाऊडडस्पीकर आनी लोकांचो बोवाळ चड आसता.

जाणकार - ३ ह्या निबंधांत देवाविशीं जाणकाराक विचारता तेन्ना जाणकार सांगता ह्या प्रस्नाची जाप उतरांनी दिवप अशक्य आसा.[८९]

## ४.१४ साहित्यिक निबंध

रवीन्द्र केळेकार हांणी साहित्यिक चिंतनां बरयल्यांत. चिंतना हो निबंधाचो प्रकार आसा. पूण साहित्याची समजणी ते इतले सादे सोपे भाशेंत सांगतात कि त्या मनशाक आपूण सामको मिशकील वा कठीण विशय वाचतां हें कळचें ना. इतल्या साद्या शब्दानी ते समजणी दिता. तांणी निबंध संग्रहांत साहित्यीक विचार मांडल्यात हाचेर उजवाड घालूंया. तांच्या प्रमाण 'साहित्यिकान तरी हो हावेस बाळगूंक जाय. आपणाले लिखणेंतल्यान एक तरी पुस्तक असलें भायर सरचें की जें आठ धा वीस पिळग्यां मेरेन लोक रूचीन वाचतले, असो हावेस साहित्यीकान दवरूंकूच जाय' [९०]

अशे तरेन ते बरोप्यांची उरबा वाडयतात. निजाचें साहित्य बरोवचें हे खातीर ह्या पुस्तकांत कितें विचार मांडल्यात ते पळोवया. 'अणभवाचो आधार घेवन बरयल्लीं पुस्तकां वेगळीं. केन्ना केन्ना तांची भास धोंगां-पोंगांची आसता. केन्ना केन्ना तातूंत कला दिसना.'[९१] ह्या निबंधांत लेखक सॉमरसेट मॉमच्या पुस्तकांची वळख करता कित्याक तर तीं तांणी वाचल्यांत आनी तांचेर थोडी भासाभास दिसून येता.[९२] 'कविता आसता एके भाव अवस्थेंत. कविच्या उतरांत उसळिल्लो कल्लोळ. उतरांचो पडसर घेवन संवेदनेचे जाणविकायेंतल्यान तो कल्लोळ आकाराक येता. अरूपाक रूप दिवन वता.' अशे तरेचे विचार ह्या संग्रहांत नदरेक येतात.[९३] सोदवावरा खातीर घेतिल्ल्या पांडुरंग भांगी हांच्या 'उतरांचो संवसार' ह्या निबंध संग्रहांत हे

तरेचे निबंध प्रकार नात. देखीक समीक्षात्मक निबंध, भोवंडेवर्णनातमक निबंध, पौराणिक निबंध, शास्त्रीय निबंध, मनोवैज्ञानीक निबंध, ज्योतिष संबंधीत निबंध, दर्शन संबंधीत निबंध, गवेषणात्मक निबंध. ह्या तरेच्या प्रकारांचे उणेपण संग्रहांत जाणवता. साहित्याची आवड ह्या निबंधांतल्यान जाता.

'सादिका' ह्या निबंधांत वाचप्यांचें नातें साहित्याकडेन करून दितात. ह्या वाक्यांतल्यान तें दिसून येता.

'पुस्तकांचें बोट धरून ती साहित्याच्या देवळांत पावली. ल्हान भुरग्यान उडकी मारून देवळांतली घांट वाजोवची तशे तरेन बुद्धीची उडकी पावना अशी गिन्यानाची घांट वाजोवपाचो छंद तांकां लागलो.'[९४] इतलेंच न्हय तर कांय हिन्दी साहित्यीकांची वळख ह्या निबंधांत जाता. देखीक - प्रेमचंद, मैथिलीशरण गुप्त, हरिवंशराय बच्चन, महादेवी वर्मा, अज्ञेय, नीरज, फणिश्वरनाथ रेणू आनी भीष्म सहानी.[९५] दर एक गोंयकाराच्या रगतांत कसली तरी कला आसा. गोंय हें कलेचें भांडार म्हणल्यार कांयच वायट जांवचें ना. पूण गोंयकारांची नामना इतली आसा की ताका 'साहित्य वाचूंक वगत मेळना आनी नाटककाराक येसाय मारपाक फावना.'[९६]

साहित्य अकादेमी, ज्ञानपीठ, नोबॅल, आनी हेर पुरस्कार मेळोवपी हेर भासांतल्या साहित्यकृतींचो बारीकसाणीन, खोलायेन अभ्यास करता.[९७] साहित्याच्या अंतपार नाशिल्ल्या अशा अप्रूप संवसारांत वाचनाचीं पाखां लावन उडत राव. झाडांचेर आनी सुकण्यांचेर कविता करित राव, पूण धर्तरेचे फाटीर सारायेवो, बोस्निया, श्रीलंका, पंजाब, पणजी, ह्या सुवातांचेर कितें चल्लां ताची उणीच जाण तरी दवर.[९८] 'कथेची कथा' हो लेखकाचो ब-यांतलो बरो साहित्यीक निबंध आसा. हातूंत कथेची कथा सांगल्या. कथेचे प्रकार सांगल्यात.[९९]

## ४.१५ शैक्षणीक निबंध

"शिकूंक नाशिल्ल्या घराब्यांत जल्माक आयिल्ले, शिकले आनी शिकना फुडें हेरां परस आपणाक वेगळे मानपाक लागले, वेगळेच न्हय, तर व्हड मानपाक लागले, तेन्ना पडल्यात."[१००] अशे तरेन लेखकान शिकिल्ल्याचो बरो वायट परिणाम सांगला. मनीस शिकलो म्हण केन्नाच वेगळो जायना. फरक फक्त इतलोच की शिकिल्ल्या मनशाक खबर आसता तें शिकूंक नाशिल्ल्या मनशांक खबर आसना. शिकलो

म्हण मनीस व्हड जायना. मनशांक कसल्या कामाची जाण आसा म्हणटकच तो मनीस त्या त्या कामांत फिशाल जाता. शिकिल्ल्या बरोबर शिकूंक नाशिल्ल्या मनशांक तितलेंच महत्व आसता. खरें म्हणल्यार ह्या संवसारांतले सगळेच मनीस एक आसतात. तातूंत वेगळेपण दाखोवपाची कांय गरज आसना.

मनशाक गिन्यानाचें महत्व पटोवन दिवचे खातीर "मनीस सत्येचे वा संपत्तिचे नदरेन केदेय व्हडले पदवेर पावूं, गिन्यानाचे नदरेन तो फाटी उल्लो जाल्यार ताच्या व्हडपणाक मोल ना अशें बुद्धाचेंय मत आशिल्लें जावंक जाय"[१०१] शिकून मनशांचें केन्ना सोपना. जिणेंतलो दर एक दीस मनीस कितें ना कितें तरी शिकत आसता. आपल्याक कितें शिकपाक जाय हें पळोवन शिकप केन्नाच सोंपना. मनीस सदांच अणभवांतल्यान शिकता. शिक्षणाचें म्हत्व पटोवन दिवपाखातीर 'शिक्षण'[१०२] हो निबंध सगळ्यांत ब-या देखीचो निबंध आसा. जाणकार-३ ह्या निबंधांत जाणकार अभ्यासाविशीं सांगतात म्हणल्यार शिकपाची प्रक्रिया निमण्या स्वासामेरेन चलता.[१०३] हातूंतल्यान आमचे जिणेंत शिक्षणाक कितलें महत्व आसा तें कळटा.

## ४.१६ पौराणिक निबंध

लेखकाचे पौराणिक निबंध तितले नात, पूण लेखकान रचिल्ल्या निबंधांत पौराणिक तत्वां मात मेळटात. लेखक जिबेची घटसाण सांगपाक द्रौपदीची देख दितात. "द्रौपदेचे जिबेन अठरा अक्षौहिणी सैन्य मारून काबार केल्लें. तरसादे परसूय जिबेची तांक व्हड. हाड नाशिल्ली जीब कसलीं अरिश्टां आपोवन हाडीत, सांगूंक नज."[१०४] रामाच्या आयुशांतल्या दुखांचेर रवीन्द्रबाबान उजवाड घातला. सितेचें स्वंयवर जावन तकलेर मांगलाक्षता पडटा म्हणसर परशुराम झुजाक पेट्टा. रामाक बापूय गादयेर बसयता म्हणसर कैकयी खुबता. मागीर चवदा वर्सां वनवास, वनवास सोंपोवन घरा येता म्हणसर एका मडवळा खातीर सीतेक सोडची पडटा, अश्वमेध करून सीतेक घरा हाडटा म्हणसर सीतेक भूंय तोंडांत घेता. अशे तरेन रवीन्द्रबाबान पौराणिक चिंतनात्मक निबंध रचल्यात.[१०५] ह्या चिंतनातल्यान लेखक मनशाच्या जिणेकडेन संबंध दाखोवपाचो यत्न करता. कित्याखातीर जाल्यार मनशाचें जिवीत हें लेगीत एक झुजामळ." पांडवांचें सैन्य संगठीत आशिल्लें, ह्या सैन्यांतलो कोण कोणाक फितूर जावंक नाशिल्लो."[१०६] श्री कृष्णाच्या वर्णना विशीं ह्या चिंतनांत आसा." श्रीकृष्ण दिसपाक कसो आशिल्लो काय? बायलो ताचे भोंवतणीं जीव

उंवाळपाक तयार जाताल्यो म्हणपाची पुराणांतलीं वर्णनां वाचलीं म्हणटकूच तो बरोच देखणो आशिल्लो अशें म्हणचें पडटा."[१०७]

"पांडवांचो लोकीक वाडता तसो तसो धृतराष्ट्र मत्सरान हुलपूंक लागता. ताका न्हीद पडना. तागेल्या दरबारांत कणिक नावाचो एक बुदवंत आसता. ताका तो आपोवन हाडटा आनी सांगता, उत्कर्श पळोवन म्हज्या आंगाक हुलोप पेटला."[१०८] अशे तरेन पुराण न्हय पूण पुराणातले विचार आमकां वाचूंक मेळटात.

लेखकाचे तशे पौराणिक निबंध कमी, पूण पुराणकथांतल्यो कांय देखी दिल्यात. पौराणिक तत्वां साहित्यांत आसप चड गरजेचीं थारतात. कित्याक तर हातूंतल्यान मनशाची घडणूक जाता. ते खातीर पुराण मनशाच्या जिणेची मूळ बुनयाद आसा. 'महाभारतांतलो भीम म्हाका सगल्यांत आवडटा तो एक ब-यांतलो बरो रांदपी आनी ब-यांतलो बरो खावपी आशिल्लो म्हूणन. पुराणकथांनी रांदप ही एक श्रेश्ट कला मानल्या. नळराजा आनी भीम, पार्वती आनी सीता हांणी रांदपाच्या कलेंत नैपुण्य मेळयलें हें मोट्या भौमानान सांगलां' अशें दिसून आयलां.[१०९] फूडें दुखां ह्या निबंधांत लेखक आपले विचार वाचप्या मेरेन पावयतना महाभारतांतली गजाल सांगतात "महाभारतांत कुंती चड उलयना. ती मोन्यानी सोंसता, आनी घडये एकांतांत घळघळीत दुखांनी दोळेभर रडटा. आपल्या दुःखाचेर दुखांचो अभिषेक करून कुंती शुचिर्भूत जाता [११०]." अशे तरेचे विचार साहित्यांत आसपावन घेतल्यार साहित्य कृतीचें बळगें वाडटा.

## ४.१७ बायलाविशीं निबंध

लेखक एक दादलो मनीस आसून लेगीत तांकां बायलांची खूब जाणीव आसा. बायलेविशीं लेखक कितें बरयता तें पळोवया." बायल हें उतर अबला ह्या उतरा वयल्यान आयलां अशें कांय जाण म्हणटात. अबला म्हळ्यार दुबळी. पयर अबला ह्या उतराचो एक नवोच अर्थ वाचूंक मेळ्ळो. अबला म्हळ्यार जिच्या बळाचो मातूय अदमास लागपाचो ना असली. फूडें लेखक मूळाची देख दिवन तें नाजूक तितलेंच तें बळवान आसता, खडपां लेगीत ताच्यान फोंडूं येतात. तिच्या बळाचो आमकां अदमास ना म्हूण अबला म्हणपाची. दिवन उडयात देशाचो सगळो कारभार तिच्या हातांत आनी पळेयात देश कसो बदलता तो." [१११]

बयलेक जागी करपा खातीर घोव-बायलेंत "समानताय आयल्यारूच एकताय येतली. ही एकताय बायलेन आपणालें व्यक्तित्व घोवाच्या व्यक्तित्वांत विरगळावन येवपाची ना." [११२]

"एकले बायल मनशेक - ब्रॅस्ट कॅनसर जाल्लो. ती गुरवार आशिल्ली पूण भुरग्या खातीर प्राण लेगीत ओंपपी. घडये ऑपरेशन केल्यार ती वाटावताली तरी भुरग्याखातीर तिचो प्रण गेलो." लेखक कितली योग्य देख दिवन बायल मनशेचें आपलेंच महत्व पटोवन दितात तें ह्या देखी वयल्यान कळटा.[११३] बायलेक आपलें सौंदर्य राखून दवरपा खातीर तांणी अशें बरयलां. 'खंयचेच बायलेन आपलें सौंदर्य आपली मालमत्ता मानूंक जायना, देवाची देणगी ती समजून ताची जतनाय घेवंक जाय. तूं तुजें सौंदर्य होगडावंक लागली जाल्यार कशें जातलें?'[११४]

मैथिली कवी विद्यापतीन जी 'वयः संधि कविता बरयल्या. तातूंत चलयेच्या जिणेंत येतल्या बदलांचेर उजवाड घातला. त्या उगडासान चलयेच्यो वेगवेगळयो काया सांगल्यात. तेच तरेन गर्भवती बायलेचें सौंदर्य कितलें फुलून येता हाचेर उजवाड घातला.[११५] ह्या चिंतनांत रवीन्द्रबाब विलासी आनी रसीक हांचे मदलो फरक सांगतात. जो मनीस सो-यान आनी चेरान तल्लीन जावन आसता ताका विलासी म्हणटात. जाल्यार जो मनीस सो-याच्या एका थेंबान पारखणी करता ताका रसीक म्हणटात. तेच तरेन विलासी मनशाक संभोगी गोडी कळना अशें दिसून येता.[११६] दत्ताबाब जाय काय जूय ह्या निबंधांत भाव भयणीच्या नात्या विशीं सांगता. तांच्या प्रमाण. “भाव भयणीचें नातें जाये जुयेच्या नात्याभशेन”[११७] “त्या नात्यांत कसले किल्मीष ना, बापूय आनी धू, आवय आनी चलो, घोव आनी बायल, भयण आनी भाव अशीं चार तरेचीं बायल दादल्यामदीं नातीं. ह्या चारय नात्यामदीं भाव भयणीचें नातें सगल्यांत अप्रूप नात्याभशेन.” [११८]ह्या नात्या विशीं खोलायेन उलयतना लेखक चलयांचो गर्भपात करचो न्हय म्हण समाजीक संदेश दिता. फूडे ते म्हणटात “भावांक भयणी नाका जाल्यो. भयणीक भयणी नाका जाल्यो. भयणींचे कळे देंठार फूलचे पयली गर्भांतच कचाकच खूटून वचपाक लागले. जाय, म्हाका जायेभशेन, म्हाका जुयेभशेन भयण जाय, हें आतां सगळ्यांनी सांगपाक जाय.”[११९] चलो चली एक म्हणपा खातीर आसता पूण खरो समाजीक दृश्टीकोण वेगळोच आसता. आमचो समाज पुरुश प्रधान आशिल्ल्यान कांय लोकांचो समजुती प्रमाण तांकां चलो

जाय आशिल्यान चलयेचो गर्भपात करतात. अशें जावचें न्हय हे पासत लेखकन चलये खातीर समाजीक जागरूकताय केल्या.

### ४.१८ प्रवासवर्णनात्मक निबंध

अशे तरेचे निबंध ज्या निबंधांत लेखक प्रवास करतल्याचें जाणवता. हीं चिंतना लेखक जपान जसा दिसला ह्या पुस्तकाचेर भासाभास करतात तेन्ना दिसून येतात. जपानाच्या प्रवासा वेळार तांकां आयिल्लो अणभव लेखक ह्या निबंधांत बरयतात. "खंयच्याय देशा संबंदान जांव समाजा संबंदान आमी बरयतात तेन्ना बरें तेंच बरोवंक जाय[१२०]. हातूंतल्यान लेखक प्रवास केल्या देशांचे बरें साहित्य बरवपाक सांगतात.

"लेखक जपानाक गेल्ल्या वेळार आपल्याक आयिल्लो प्रवासांतलो अणभव सांगता. "जपानात आमी दोन म्हयने भोंवले, आगगाडयेन. खंयच्याच स्टेशनार आमी कुली वा हमाल पळेलो ना."[१२१] हातूंतल्यान लेखक हांगाच्या समाजाचेर उजवाड घालपाचो यत्न करता. हांगां स्टेशनाचेर हमाल आनी कुली दिसतात, पूण जपानांत कुली आनी हमाल दिसना. हाजे वयल्यान जपानांतलो समाज स्वावलंबी हें  नदरेक हाडटा. भारतांत सगळ्याच स्टेशनाचेर कुली आनी हमाली दिसतात. जपान आनी भारत दोनूय प्रगल्भ, आधुनिक देश पूण जपानांत जी सामान्य मनशांची पिडणूक जायना ती भारतांत जाता.

### ४.१९ दर्शन संबंधीत निबंध[१२२]

अशे तरेच्या तत्वीक निबंधांचीं तत्वां पळोवपाक मेळटात. देखीक- "कांय जाण तत्वांचे मनीस आसतात. दुस-यांकूय ते तत्वांच सांगतात. तांचो गुन्यांव ना. एकाद्रें तत्व मनशाक पटिल्लें आसलें, जाल्यार तें ताका सस्त बसूंक दिना."[१२३]

### ४.२० ज्योतिष संबंधीत निबंध

मुकेशबाबान ज्योतिष संबंधीत निबंध रचूंक नात पूण खरो गोंयकार ह्या निबंधांत 'गोंयकार ज्योतिषाचेर'[१२४] उलयता हें दिसून येता. ह्याच निबंधांत ज्योतिषाक कुंडली दाखोवन व्हड राजकरण्याचे हावेस बाळगीतात हें

दिसून येता.[१२५] हा हा हा! ह्या निबंधांत तर हांसपाचो आनी ज्योतिशशास्त्राचो संबंध दाखयिल्ल्याचें दिसून येता.[१२६] ज्योतिष मनशाक कितलें महत्वाचे तें दाखोवन दिवपाचो यत्न लेखकान केला. समाजातले कांय मनीस तर आपली कुंडली पळोवन कामां करतात. कांय मनीस इतले भावार्थी आसता आपले कुडलींत कितें वायट दोश आसा हें कळिल्ल्यान आपलें तोंड लेगीत उगडना वा घरांतल्यान पावल लेगीत भायर घालना हो ज्योतिषशास्त्राचो भावार्थ समाजा सामकार हाडपाचो यत्न लेखकान केला.

## ४.२१ व्याक्तीचित्रणात्मक निबंध

ह्या तरेच्या निबंधांत लेखक खंयच्या प्रभावी मनशाविशीं बरयतात. अशे तरेचो मनीस ज्या मनशाकडल्यान देख घेवं येता. देखीक लेखक एका चिंतनांत गांधीविशीं वाचप्याक जाण करून दिता. तेच तरेन दुस-या चिंतनात शणै गोंयबाबांविशीं भासाभास करतात. देखीक "ह्या देशांत आज गांधीक मान उरूंक ना. म्हात्मो आज जितो आशिल्लो जाल्यार आपल्याच सरकाराआड बंडाचो उलो ताका घालचो पडटलो आशिल्लो."[१२७] "कोंकणीच्या स्वराज्याचो दिस्टावो वामनबाबांकच जालो. सामको निर्णल्ल्या, अबर्गत जाल्ल्या गोंयकारांत नवो प्राण फुंकपाचो यत्न वामनबाबांनी केलो [१२८]" अशे तरेचे व्याक्तीचित्रणात्मक अंश ह्या निबंध संग्रहांत मेळटात.

## ४.२२ संशोधात्मक निबंध

मुकेशबाबाच्या पुराय निबंध संग्रहांत संशोधात्मक तत्वां दिश्टी पडटात. तातूंतली एक देख पळोवया. 'ल्हार शब्दाळ्याचें, एप्रिल फूल' ह्या तांच्या निबंधांनी मुकेशबाबान मोटव्या स्वरुपाचो इतिहास दिला. तातूंतल्यान तांची संशोधनात्मक वृत्ती दिसून येता. 'ल्हार शब्दाळ्याचें' ह्या निबंधांतलीं कांय वाक्यां पळोवया. मुळाव्या स्वरुपाचीं शब्दाळीं सगळ्यांत पयलीं इंग्लंडांत एकुणिसाव्या शतमानांत आयलीं, पूण ख-या अर्थान पयलें शब्दाळें २१ डिसेंबर १९१३ ह्या दिसा 'न्यू यॉर्क वर्ल्ड' ह्या दिसाळ्याचे आयताराचे पुरवणेंत 'फन' ह्या सदरांत उजवाडाक आयलें. ताची मांडावळ आर्थर व्हीन हाणें केल्लीं, १९२३ मेरेन अमेरिकेंतल्या सगल्या नेमाळ्यांनी हें सदर उजवाडाक येवन ताची लोकप्रियता खूबच वाडली, १९२५ मेरेन सगळ्या ब्रिटीश खबरांपत्रांनी शब्दाळें हें दिसपट्टें सदर जाल्लें, १० एप्रील १९२४ ह्या दिसा शब्दाळ्याचें पयलें पुस्तक

उजवाडाक आयलें, १९३० सावन अमेरिकेंतल्या नेमाळ्यांनी शब्दाळ्यां खातीर धा हजार डॉलर्सचीं इनांमां दवरपाक सुरवात जाली, १९३० त, क्रॉसवर्ड शब्दाळें हो शब्द शब्दकोशांत आयलो आनी कालांतरान तो रोखडोच विश्वकोशांतूय आयलो.[१२९] हातूंतल्या लेखकाची संशोधनात्मक वृत्ती जाणवता.

दत्ता बाबाले निबंध इतले सुंदर आसात. हे निबंध वाचतां वाचतां लेखकाची संशोधनात्म वृत्ती नदरेक आयले बगर रावना. तांचे चडशे निबंध तत्वात्मक आसात. जे सरभोंवतणी तांकां दिसले तशेच तरेन तांच्यानी ते मांडपाचो यत्न केला. तांचे हे निबंध दनपार, रोजां, सह नौ भुनक्तु, साकरन्हीद, जनेलांचें जग, सुग्रीवा, या शुभ्रवस्त्रावृता, दुखां, चावी, सावळ्यो, चिंचेबोटां मरणांतलें कवित हे सगळेच निबंध संशोधनात्म जाणवतात. कित्याक तर खंयचोय निबंध लेखकान विचार पूर्वक बरयल्याचें जाणवता. हातूंतल्यान लेखकाचो निरीक्षक गूण जाणवता. ‘‘सावल्यांक माप नासता, मिती नासता. विदेही सावल्यांक देह नासता. निर्गंधी सावल्यांक गंध नासता. सावली म्हळ्यार उजवाडाचें निर्माल्य.. सावळी शाश्वत न्हय. सनातन न्हय स्वयंभू न्हय. सावळी चिरंजीवी न्हय. चिरायुष्यी न्हय. खिणाजिवी सावळी परभृत. पारावलंबी सावळेचें प्राक्तन तिचे हातांत ना.’’[१३०] अशे तरेन लेखक सावळ्यां विशीं आपली संशोधनात्मक वृत्ती उक्तायता. लेखकाचो निबंध वाचल्यार जणू काय सावळ्यांचेर संशोधन करून सावळ्यांचेर निश्कर्श दिला अशे तरेचो हो निबंध.

## निश्कर्श

मनीस संघटीत रावन समाज घडयता. ह्याच समाजाचे लेखक निरीक्षक आसतात. जें नदरेक येता तें सरळ लेखक कागदार चितारता. रवीन्द्रबाब काकासाहेबांच्या सहवासांत आशिल्ल्यान तांच्या शैलीचेर, विचारांचेर आनी विचार करपाच्या पध्दतीचेरूय काकासाहेबांचो प्रभाव दिसता. लेखकाच्या साहित्यांत गांधी, काकासाहेब कालेलकार, समाजीक, धर्मीक, राजकी आनी साहित्यीक विचार मेळटात. हे तांचे चिंतनात्मक निबंध वाचतकच तांच्या विचारांची खोलाय दिश्टी पडटा. आमच्या सदच्या जिवितांतल्या विचारांनी आमकां कितलें शिकूंक मेळटा तें आमकां कळून येता. लेखकाची निरीक्षण शक्त तांच्या लेखनांतल्यान जाणवता.

पांडुरंगबाबांच्या निबंधांत वेगवेगळे प्रकारांक धरून निबंध तितले नात, पूण त्या प्रकारां अंतरगत निबंधांचीं तत्वां सोदवावर करतना नदरेक येतात. समाजीक नदरेंतल्यान पांडुरंगबाबांच्या निबंध संग्रहांत पुराय समाजाक केंद्र धरून निबंध आसात पूण तीं समाजीक तत्वां चिंतनात्मक आशिल्ल्याचें जाणवता. लेखकान सैमीक निबंध बरोवन सैमाविशीं जागरूताय निर्माण केल्या. मांडवी तूं उठ ह्या निबंधांत हो उलो मांडविक मारिल्ल्याचो दिसून येता. तातूंत मांडविक हांगा जाल्ल्या ब-या वायट घडणूकांची जाप विचारताना तातूंत गोंयच्या इतिहासाचेर उजवाड घातला. अशे तरेचीं तत्वां इतिहासीक निबंधांच्या रूपांत पळोवंक मेळटात. भाशा ही मनशाच्या जिणेंतलो म्हाप्राण. हो प्राण जितो उरूंक जाय ते खातीर लेखकान भाशेविशीं बरप केलां. भाशा म्हणल्यार मनशांचो जीव. खंच्याय मनशाक भाशा ना जाल्यार तो उलोवंक शकना. भाशेचें म्हत्व पटोवपाचो यत्न लेखकान निबंधांतल्यान केला.

दत्ताबाबाल्या नागव्वाली काणी निबंधांत  बायल मनशेन कितलीय जरी आपूण स्वावलंबी म्हणली जाल्यार लेगीत आमचो समाज पुरूष प्रधान. घोव नाशिल्ल्या बायलेक समाजा सामकारा वतना तरा तारांच्या प्रस्नांक जाप दिवची पडटा. घोव ना नोकरी ना अशे बायलेक तर समाजांत रावप सामकें कठीणूच आसता. ते खातीर अशे तरेच्या निबंध तत्वांचो आसपाव समाजीक निबंधांत जाता. समाजांत जे जे प्रस्न आसात ते वेगळेच तरेन मांडपाचो यत्न  दत्ताबाबाच्या निबंधांत दिसतात. दत्ताबाबाच्या निबंध संग्रहांत समाजीक तत्वां नदरेक येतात. सादारणपणान गोंयच्या संस्कृतीक जिणेचेर उजवाड घातला. गोंयचे लोकजीणेंत संस्कृतीक नदरेन स्थान आशिल्याचें दाखोवन दितात. तेच तरेन गोंयचे लोक देवांक न्हाणयता, नवरात्रांत गुरूचरित्र, श्रावणांत श्रावणी आयतार पुजता, नागपंचम आनी मागीर गोकुळाष्टम मनयता, चवथ, तुळशीचें लग्न ह्या सणाचेर उजवाड घातला. गोंयच्या समाजांतलो लोक आपलें कसलें काम जावपाक जाय जाल्यार पयलीं देवाचें दर्शन घेता. देवाक आंगवणी करता. काम जातकच देवाचें दर्शन घेवन देवाचो मान पावयता अशे तरेचो समज हांगा दिसता. तेच तरेन ज्या भगतांगेर नाग पूजता ते नागाक आंगवण करता. गोंयच्या लोकां मदें देवाक होरावणी करपाचो समज आसा. निबंध साहित्यांत संस्कृती दाखोवपाचो यत्न केला, फाटल्यो यादी याद जाल्ल्यान लेखक हांगा भावनीक दिसून येता. आमचो समाज पुरुश प्रधान आशिल्ल्यान कांय लोकांचे समजणे प्रमाण तांकां चलो जाय आशिल्ल्यान चलयेचो गर्भपात करतात. अशें जावचें न्हय हे पासत लेखकन चलये खातीर समाजीक जागरूकताय केल्या.

मुकेशबाब आपले विनोदी वृत्तीचो वापर करून लेगीत समाजांत जागरूकताय हाडपाचो यत्न करतात. मुकेशबाब दिसान दीस समाजांत मनशां मदें जें कामा निमतान तांच्या मनांत प्रदूशण जाता ताचेर उजवाड घालपाचो यत्न करतात. मुकेशबाब सरकारी कार्यालयांनी कितें चलता ताचेर उजवाड घालतात समाजीक जागृताय आशिल्ल्याचें जाणवता. मुकेश थळी हांच्या निबंधांत समाजीक जागरूकतायेचे निबंध आशिल्ल्याचें जाणवता. तांच्या निबंधांत मनशांच्या दुशीत वृत्तींचो विरोध करतात. मुकेश थळी हांच्या निबंधांत समाजीक जागरूकतायेचे निबंध आशिल्ल्याचें जाणवता. लेखकाचें चडांत चड बरप समाजाखातीर आसा. तांचो निबंध संग्रह वाचतना तांकां समाजांत चलतल्या वायट घडणूकांची चीड आशिल्ल्याचें पळोवपाक मेळटा. समाजांत जे जे प्रस्न आसात ते वेगळेच तरेन मांडपाचो यत्न तांच्या निबंधांत दिसता. आपले विनोदी वृत्तीचो वापर करून लेगीत समाजांत ते जागरूकताय हाडपाचो यत्न करतात. ह्या लेखकाचें साहित्य समाजाक संदेश आसात. पर्यावरणांतल्यान प्रदूशण कशें आळाबंदा हाडप हे पासत प्रस्न उप्रासायला. पूण दिसान दीस समाजांत मनशां मदें जें कामा निमतान तांच्या मनांत प्रदूशण जाता ताचेर उजवाड घालपाचो यत्न लेखक करतात. आपल्या मुखार कोणाक प्रमोशन मेळचें न्हय म्हण जे तरेचे पेच समाजांत चलतात तेय एके तेरेचें समाजीक प्रदूशण आसा. आधुनिक काळांत शहरीकरण जावपाक लागिल्ल्यान समाजांतले मनीस झाडां मारपाक लागल्यात. त्या जाग्यार उंच उंच इमारती बांदपाक लागल्यात हो विचार लेखक वाचप्या सामकारा हाडटा. मनीस आपल्या स्वार्थापासत सैम दूशीत करीत आसा हाचेर लेखक लक्ष ओडपाचें काम करता. तेच तेरेन हातूंतल्यान लेगीत वनस्पत मोनजात हांचे विशींचे आपले विचार बरोवप्यान मांडल्यांत. कोंकणी समाजाची बेफिकीर वृत्ती दाखोवपाचो यत्न लेखकान केला. कोंकणी मनीस आपलेच भिरकेंत आशिल्ल्याचेंय हांगा जाणवता.

मनशां प्रमाण संस्कृतीचे नीत नेम थारतात. जे तरेन मनशाची वागणूक आसता ते तरेन मनशाची संस्कृती थारता. समाजांतल्या जण एका मनशाची इत्सा आसता आपूण ज्या समाजांत रावतां त्याच समाजांत आपल्याक मानाचो पाट मेळचो. परकी समाजांत ही इत्सा केन्नाच मनशा मदें नदरेक येना. देखून समाजाच्या नदरेन मनीस आपली पत सांबाळून दवरता. दत्ताबाबाच्या निबंध संग्रहांत समाजीक तत्वांय नदरेक येतात. जशी मनशांची वागणूक बदल्ल्या तसो संस्कृतीचो विस्तार जायत गेला. रवीन्द्रबाब मनशांनी आपली संस्कृती स्वता जोडपाक जाय हाची समाजाक जाणीव करून दितात. संस्कृतीविशीं एक आधुनीक वा धर्मान आशिल्लोच विचार लेखकान ह्या खिस्तींत मांडला. इतिहासाचे पुरावे लेखक आपल्या बरपांत

बरयतात. इतिहासाचो उगडास दवरप गरजेचें कित्याक तर होच इतिहास आमच्या फुडाराची बुनयाद आसता. जण एका लेखकाक थोडी तरी इतिहासाविशीं आपुलकी आसा. म्हण आमकां बरें साहित्य वाचपाक मेळटा. लेखकान आपल्या निबंधांत कितलोसोच इतिहास सांगला. लेखकाचें व्यक्तीमत्व कोंकणी भाशेचो एक इतिहासीक पुरावो आसा. पांडुरंगबाबन शिवाजी ही इतिहासीक व्यक्ति आशिल्ल्यान तांचेर चिंतनात्मक बरप केलां. रवीन्द्रबाबान ज्या राजकी घडणूकांचो आपल्या जिणेंत अणभव घेतला तेच विचार तांच्या निबंधांत नदरेक येतात. आज राजकारण म्हणल्यार पयसो करपाचें साधन जालां. ह्या संवसारांत असो एकूय मनीस मेळचोना जो राजकरणाचें सपण चडूंक ना. रवीन्द्रबाबान कोंकणी भाशे खातीर काम केलांच पूण हेर भाशांविशीं आवड तांच्यांत आशिल्ली हेंय जाणवता. भास खंयचीय आसली तरी भाशेचो विद्रोह केन्नाच करचो न्हय हो तांचो दृश्टीकोन. दुस-या भाशेविशीं लेखकाचे राष्ट्रीय सत्यनिश्ठतेचे विचार निबंधांनी पळोवपाक मेळटात. पांडुरंगबाबां प्रमाण भाशा ही मनशाच्या जिणेंतलो म्हाप्राण आसा. हो प्राण जितो उरूंक जाय ते खातीर लेखकान भाशेविशीं बरप केलां. रवीन्द्रबाबांचे निबंध संग्रह वाचतना लेखकान वर्णनात्मक पद्धती वापरल्या हें जाणवता. कला ही सामाजिक हेतू खातीर नासता पूण तातूंतल्यान समाजांत परिणाम जांव येता हाचेर उजवाड घातला. कांय पुस्तकां पयलींच वाचता तेन्ना तांचेर तितलो विचार जायना, पूण काळांतरान विचारांची प्रगल्भता येतकच बरपांत अशे तरेचे विचार येतात. तेच विचार रवीन्द्रबाबांच्या साहित्यांत नदरेक येतात. अशे कांय समीक्षात्मक अंश रवीन्द्रबाबांच्या साहित्यांत नदरेक येतात. ह्या संग्रहांत भोवंडे वर्णनात्मक निबंध आसात. गोंयांत खंय कितें आसा हाचेर कांय निबंधांनी भासाभास आनी विचार जाला. पूण तशें भोवंडे वर्णनात्मक निबंधांक महत्व दिवन केल्लें बरप तितलें नदरेक कमी येता. रवीन्द्रबाबान साहित्यिक चिंतनां बरयल्यांत. चिंतना हो निबंधाचो प्रकार. पूण साहित्याची समजणी ते इतले सादे सोपे भाशेंत सांगतात कि त्या मनशाक कळचें लेगीत ना आपूण कितें शिकता तें. तांणी निबंध संग्रहांत साहित्यीक विचार मांडल्यात. रवीन्द्रबाबान शिकिल्ल्याचो बरो वायट परिणाम सांगला. मनीस शिकलो म्हण केन्नाच वेगळो जायना. फरक फक्त इतलोच की शिकिल्ल्या मनशाक खबर आसता तें शिकूंक नाशिल्ल्या मनशांक खबर आसना. शिकलो म्हण मनीस व्हड जायना. मनशांक कसल्या कामाची जाण आसा म्हणटकच तो मनीस त्या त्या कामांत फिशाल जाता. शिकिल्ल्या बरोबर शिकूंक नाशिल्ल्या मनशांक तितलेंच महत्व आसता.

# संदर्भ सूची आनी टिपो

[1] बोरकार माधव, आचार्य योगिनी, काकासाहेबांक लागून जिविताक अर्थ, संपा. नायक प्रशांत, कोंकणी दिवाळी २००८, कोंकणी भाशा मंडळ, पान ६.

[2] केळेकार रवीन्द्र, वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां), जाग प्रकाशन, प्रियोळ, माड्डोळ - गोंय, दुसरी उजवाडावणी २००७, पान १७

[3] शेणवी बोरकार गोंविंद सखाराम, अश्टतासी व्यक्तीमत्व - रवींद्रबाब केळेकार, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, १९९७, पान १०.

[4] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १५५.

[5] केळेकार रवीन्द्र, सांगाती (चिंतनां), सुमन्त केळेकार, जाग प्रकाशन, प्रियोळ, माड्डोळ- गोंय, १९७७, पान ३.

[6] केळेकार रवीन्द्र, ओथांबे (चिंतनां), माणिकपद्म प्रकाशन - बांदोडें, १९९९, पान ८५.

[7] भांगी पांडुरंग, उतरांचो संवसार, गोपाळकृष्ण पाडगांवकार सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००६, पान ६२.

[8] नायक दत्ता दामोदर, जाय काय जूय?, बिम्ब प्रकाशन, २००२, पान २२.

[9] थळी मुकेश, वळेसर, जैत प्रकाशन, २००७, पान ७०.

[10] तत्रैव, पान १२.

[11] तत्रैव, पान १६.

[12] तत्रैव, पान २१.

[13] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ७७.

[14] तत्रैव

[15] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १५१.

[16] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५.

[17] थळी मुकेश, २००७, पान ९.

[18] तत्रैव, पान १२.

[19] तत्रैव, पान २४

[20] तत्रैव, पान २५.

[21] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १४७.

[22] तत्रैव

[23] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १४५.

[24] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १२१.

[25] तत्रैव, पान ११.

[26] तत्रैव

[27] तत्रैव

[28] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८३.

[29] तत्रैव, पान ८७.

[30] तत्रैव

[31] तत्रैव, पान १४.

[32] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ४९.

[33] थळी मुकेश, २००७, पान ८.

[34] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १११.

[35] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १५५.

[36] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ४९.
[37] तत्रैव
[38] थळी मुकेश, २००७, पान ७० – ७१.
[39] तत्रैव
[40] तत्रैव, पान ५८ – ६०.

[41] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १५५.

[42] तत्रैव, पान १३२.

[43] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ६८.

[44] तत्रैव, पान ७०.

[45] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १७.

[46] थळी मुकेश, २००७, पान १६ – १७.

[47] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २९.

[48] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १६.

[49] तत्रैव, पान ४७.
[50] थळी मुकेश, २००७, पान १५.
[51] तत्रैव, पान ५९ – ६०.

[52] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ४७.

[53] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५ -७.
[54] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान १-२.
[55] तत्रैव, पान ३.

[56] तत्रैव, २००२, पान १८.

[57] थळी मुकेश, २००७, पान ६.
[58] तत्रैव, पान ७.

[59] तत्रैव, पान ८.

[60] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ६६.

[61] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १०७.

[62] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ५१.
[63] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ११७.
[64] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ६०
[65] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८३ – ८९.

[66] थळी मुकेश, २००७, पान ५५.

[67] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १६ – १७.
[68] तत्रैव, पान २४.

[69] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ६०

[70] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८८.
[71] तत्रैव, पान ६६.

[72] तत्रैव, पान ७२.

[73] तत्रैव, पान ७५.
[74] थळी मुकेश, २००७, पान ५४.

[75] तत्रैव, पान ४४.

[76] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ६२

[77] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ३८.

[78] थळी मुकेश, २००७, पान ५४.

[79] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २५.

[80] थळी मुकेश, २००७, पान ८.
[81] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ५९.

[82] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ३७.

[83] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ६.

[84] तत्रैव, पान १२२ – १२३.

[85] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान १६
[86] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८३.
[87] थळी मुकेश, २००७, पान ६४.
[88] तत्रैव

[89] तत्रैव, पान ४७.

[90] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ७०.

[91] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १३०.

[92] तत्रैव, पान ४.

[93] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ३८.

[94] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ६८.

[95] तत्रैव, पान ६८.

[96] थळी मुकेश, २००७, पान ८.
[97] तत्रैव, पान १६.
[98] तत्रैव

[99] तत्रैव, पान ६७.

[100] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ७.

[101] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान २.
[102] थळी मुकेश, २००७, पान १८ -२०.
[103] तत्रैव, पान ४६.
[104] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १.
[105] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान २६.
[106] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ८१.
[107] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ११३.
[108] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १२९
[109] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ६-७.
[110] तत्रैव, पान ४०.
[111] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ७२.

[112] तत्रैव, पान ५३.
[113] तत्रैव, पान ७२ – ७३.
[114] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ५९.
[115] तत्रैव, पान १४१.

[116] तत्रैव, पान १२२.

[117] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २९

[118] तत्रैव
[119] तत्रैव, पान ३०

[120] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ३८ – ३९.

[121] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ४२.

[122] सिंह त्रिभुवन, साहित्यिक निबंध, हिन्दी प्रचारक मंडल, वाराणसी, १९७६, पान ३२१.
[123] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ५६.
[124] थळी मुकेश, २००७, पान ५२ – ५३.
[125] तत्रैव, पान ५३.

[126] तत्रैव, पान ४८.

[127] भांगी पांडुरंग, २००६, पान २६.

[128] तत्रैव, पान २७.
[129] थळी मुकेश, २००७, पान ७१ – ७२.

[130] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ५०

# ५. समाजशास्त्रीय निबंधांची भाशा, शैली आनी शिल्प

## विशय प्रवेश

संवसारांत जल्माक आयिल्लो जण एक मनीस कसलीय तरी भास उलयता जी तो ज्या समुहांत रावता त्या समूहाक समजता. पूण जशी मनशांची वसाहत वाडली, तेच तरेन मनशांच्यो हालचाली वाडल्यो, समाजांत भाशेचो प्रचार जायत रावलो, भाशा चडांत चड प्रगल्भ जायत गेली. ह्या प्रगल्भ भाशेंत शिल्प आनी शैलीचो आसपाव जायत रावलो. पोएटीक्स तशेंच ह्रेटोरीक्स ह्या दोनय कृतींनी काव्याची भास आनी शैली हांचे विशींचे ॲरिस्टोटलाचे विचार आस्पावल्यात. आशय भाशेच्या माध्यमावरीं वाचपी वा प्रेक्षकांमेरेन पावोवप हें लेखनाचें मूलभूत ध्येय आशिल्ल्यान ॲरिस्टोटल भाशेच्या उपेगांत स्पश्टताय आनी औचित्य ह्या दोनांयचो आस्पाव आसचो अशें म्हणटा. हांगा स्पश्टताय हाचो अर्थ 'समजूंक सोपी भास' असो घेवचो पडटा. औचित्य ह्या गुणावरवीं ताका भाशेंत लिपिल्लीं अर्थाचीं साबार तासां फावो तशीं उक्तावप हो अर्थ अभिप्रेत आसा. वेगवेगळ्या प्रसंगार, भास वेगवेगळो अर्थ व्यक्त करूंक शकता. म्हूण त्या त्या प्रसंगाक सोबसारके बरपाचे (वा उलोवपाचे) प्रकारय आसात. ह्या प्रकारांक योग्य अशी शैली उपेगांत हाडप हें यशस्वी बरोवप्याचें काम आसता.[१] तेच तरेन क्विंटीलियन हो नामनेचो रोमन वक्तृत्वशास्त्री आशिल्लो. इंस्टिट्युटीयो ओरेतोरीयो हो तांचो ग्रंथ. बारा भागांनी बरयिल्लो हो म्हा-ग्रंथ हो उपेगी पडसारक्या प्रशिक्षणाचो एक नमुनो जावन आसा. क्विंटीलियन ब-या उलोवपाविशीं मतां मांडटा, ब-या बरपाची भास, शैली, परिणामकारकता आनी कलात्मकता हांचेर उजवाड घालता.[२] तांच्या उतरांची मांडणी शैली पुराय जांवक जाय जाल्यार पयलीं दरेक उतर वेंचीक आसूंक जाय. वेंचतना उतराचो उच्चार, ताचे वरवीं जावपी ध्वनी आनी अर्थ हे निकश लावप, क्विंटीलियनाक गरजेचें दिसता.[३] ते खातीर भाशेचो अर्थ, परिणाम आनी प्रभाव जाणून घेवया.

## ५.१ भाशा - अर्थ, परिभाशा आनी प्रभाव

साहित्यकार आपली भाशा बरी आनी प्रभावी, प्रगल्भ आनी सृजनात्मक करपाक जायत्या हेर भाशेच्या शब्दांचो प्रयोग आपल्या साहित्यांत करतात. अशें केल्ल्यान साहित्यकाराची तांक कळटा आनी साहित्य चड प्रभावी जाता. तेच तरेन वेगवेगळ्या समाजालागीं वेगवेगळ्या कारणां खातीर लेखकाचे संबंध

समाजालागीं आयिल्ल्यान साहित्यांत बदल जायत रावता. साहित्य समाजाक बदलता अशें म्हणटात, पूण सगळ्यांत पयलीं समाज आनी सरभोंवतणचें वातावरण साहित्य घडयता. हे पासत साहित्यांत समाजांतले संवेदनशील प्रस्न हाताळटात. प्रा. शरतचंद्र मुक्तिबोध म्हणटात. "ध्वनींना प्राप्त होणारा अर्थ समाजच देत असतो, तो ध्वनींचा गुणधर्म नव्हे .....भाषा ही व्यक्तिच्या नव्हे तर समाजाच्या आयुष्यांत तयार होत आसते. निवेदनाद्वारे व्यवहार सुकर करणे हे तिचे कार्य."[४]

अर्थ व्यक्त करतल्या संदेशांतल्या खाणाखुणेक चिन्न अशी शास्त्रीय संज्ञा वापरून, ह्या चिन्नाक थारायल्लो अर्थ प्राप्त करून दिवप, तर विशिश्ट चिन्नाक विशिश्ट अर्थ प्राप्त करून दिल्लो आसता.[५] ह्या खाणाखुणांचो अर्थ समजतकच डॉ. शामसुंदर दास भाशेक शैलीचो मूळ आदार मानतात. भाशा अशे तरेच्या शब्दांचो समूह जो एका विशेश क्रमान व्यवस्थित जावन आमच्या मनाचे विचार दुस-या मेरेन पावयता वा तातूंल्यान तांकां प्रभावीत, समर्थ करता.[६] राजेन्द्र यादव म्हणटात "संवेदना की तहों में बिखरी जीने की आकांक्षा के शब्दों में बीन कर जब हम अपने पात्रों के माध्यम से तत्कालीन परिवेश में सांस लेते है, उसे अतिकान्त करते हैं या इस प्रयास में टूटते है तो सार्थक रचना जन्म लेती हैं।"[७]

भाशे बगर मनीस पुराय जायना तशें साहित्या बगर भाशा आनी भाशे बगर साहित्य पुराय जायना. प्रत्येक साहित्यकाराक भाशेचो आदार घेवचो पडटा देखून भाशा साहित्यकारा खातीर चड गरजेची थारता. ह्याच भाशेचो वापर करून मनीस आपल्या कल्पनेच्या बळग्याचेर साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार निर्माण करतात. ह्याच साहित्य प्रकारांलो निबंध ह्या प्रकाराची भाशेविशीं खोलायेन म्हायती करून घेवंया.

भाशा मनशांची संपत्ती आसा. मनशाचो भाशेकडेन संबंध पुरातन काळा पासून आसा. जेन्ना मनशान ह्या धर्तरेचेर जल्म घेतलो तेन्नाच्यान घडये मनशान सार्थक भाशेचो प्रयोग करूंक ना जांव, पूण मनीस जसो जसो सभ्यताय घेवन चलपाक लागलो तशी ताची भाशा समृद्ध आनी सुसंस्कृत जायत रावली.[८] भाशा मनशाच्या जिणेंत म्हत्वपूर्ण आसा कित्याक तर भाशे बगर मनीस घरांत, व्यवहारांत, समाजांत आनी धार्मीक जाग्यार परस्पर संबंध सुद्दढ संबंध स्थापन करूंक शकना.[९] भाशा साहित्याचें अनिवार्य रूप आसा. भाशाच अभिव्यक्तीचें साधन आसा. कित्याक तर भाशेबगर भाव आनी विचार अभिव्यक्ती असम्भव थारता. साहित्यकाराच्या मनांतले विचार व्यक्त करपाक भाशा उपयोगी थारता.[१०] शिल्प अंतर्गत भाशा,

म्हणी ओंपारी, शैली, बिंब आनी प्रतीक येतात.[११] रामविलास प्रमाण, साहित्याचें शिल्प ताच्या वेगवेगळ्या रूपांतल्यान समाजीक विकास करता. हें ताचेर चडांत चड आदारून आसता, आनी अशें न्हय प्रत्येक प्राचीन साहित्यांत महाकाव्य साहित्याचें मुख्यरूप जाता. लोकांमेरेन साहित्य पावोवपाच्या साधनांत जें परिवर्तन जाता ताचो प्रभाव ताच्या रूपांचेर पडटा.[१२] वर्ड्स्वर्थ प्रमाण मनीस भाव वेगांतल्यान जी भाशा उलयता तीच खरी आनी प्रभावोत्पादक भाशा आसता.[१३] भाशा सरळ उलयली जाल्यार लेगीत भाशेंत भाव आसता हो भाव समजप गरजेचें थारता.

## भाशात्मक गुण

भाशा म्हणल्यार अर्थपूर्ण शब्दांची रास. ज्या ध्वनी आनी चिन्नांच्या आदारान मनीस परस्पर विचार आदान प्रदान करतात ताका भाशा म्हणूं येता. भाशेच्या लक्षणांच्या विचारां अंतरगत भाव आनी इच्छा आसता.[१४] तेच तरेन भाशेंत संवेदना आसता. भाशा, संवेदना आनी अणभवाचें स्वरूप आसता.[१५] भारतीय आचार्यांनी भाशेचीं दोन रूपां दाखयल्यांत – स्वभावोक्ती आनी अतिशयोक्ती.[१६] भाशा सरळ आसपाक जाय, ह्या सरळ शब्दाक इंग्लीश भाशेचो शब्द आसा 'सिम्पल' ऑक्सफोर्ड डिक्शनरी प्रमाण सिम्पल शब्दाचो अर्थ जाणून घेवंया. १) रचना फक्त एक तत्वाचेर आसप २) घुस्पायल्लें, कठीन आनी अणकारीत आसप ना. ३) निरपेक्ष ४) निश्चल, सादी, सहज आनी अकृत्रिम आसप. हे गूण भाशेंत आसा काय ना हाचो सोद घेवप म्हत्वाचो थारता.[१७] भाशेंतल्यान साहित्याची निर्मणी जाता. ह्या भाशेचीं वेग वेगळीं रूपां जाणून घेवंया.

## सहज सरळ आनी स्पश्टताय

सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधांची भाशा सरळ आनी स्पश्ट आसा अशें जाणवता. रवीन्द्रबाबाचे निबंध तर ल्हान ल्हान वाक्यांनी जायते विचार वाचप्यां मुखार पावयतात. हें तांच्या निबंधाचें खाशेलपण. देखीक रवीन्द्र केळेकारांच्या, ओथांबे (चिंतनां) ह्या निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण पळोवया- "कोणाली तें विसरलों. एक कथा वाचूंक मेळिल्ली. एक आशिल्लें शेवणें. खूब उडटालें. वयर वयर मेरेन वतालें. पुणून नदर सदांच जमनीर दवरून उडटालें."[१८] पांडुरंगबाबाच्या उतरांचो संवसार, निबंधांतलें अवतरण पळोवया. तांच्या निबंधांत ल्हान ल्हान वाक्यां पळोवपाक मेळटात. देखीक - "सुखाचो भाग दिवंचो. दूख्ख मात

आपणें एकल्यान सोंसचें."[१९] दत्ताबाबाच्या निबंधांत लेगीत ल्हान ल्हान वाक्यां पळोवपाक मेळटात. ह्याच ल्हान ल्हान वाक्यांतल्यान ते व्हड विचार निबंधाच्या स्वरूपांत गूंथतात. जाय काय जूय?, ह्या निबंधांतली देख - "आयले, रोजांचें दीस आयले. भाद्रपद सोंपून आश्विन लागलो. लख्ख वताचे दीस आयले." [२०]ह्या निबंधांतली भाशा कशे तरेन सरळ आनी सहज आसा तें दाखोवन दिवपाक ह्या देखींचो वापर केला.

## भाशेचे गुण वा दोश

सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधाच्या भाशेंत तसो दोश नदरेक येना. लेखकांनी जे तरेन निबंध रचल्यात ते समजपाक कठीण लागनात. भाशा सरळ आशिल्ल्यान निबंध समजूपाक सोपें जालां. भाशा सामकी सादी आशिल्ल्यान निबंध वाचपाक तनरी लागता. निबंध रचतना लेखकांनी क्लिश्ट शब्दांचो कमी प्रयोग केला. पूण संस्कृत, हिन्दी, इंग्लीश उर्दू आनी मराठी भाशेंतल्या शब्दांचो प्रयोग निबंधांनी केला. देखीक - It is chance that makes brothers, but hearts that makes friends.[२१] अशे तरेचो समाजीक सदभाव दवरपी अशे तरेची देख रवीन्द्रबाबाच्या "वेळे वयल्यो घुलो" ह्या निबंध संग्रहांत पळोवपाक मेळटा.

### वेगवेगळया भासांचो प्रभाव

हो प्रभाव सोद वावराक घेतिल्ल्या लेखकांच्या साहित्यांत जाणवता. पुर्तुगेज राजवट गोंयचेर आशिल्ल्या कारणान पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव कोंकणी भाशेचेर जाणवता. देखून निबंधाच्या संदर्भांत भाशच्या प्रभावाचो सोद घेवंया.

### तत्सम शब्द

तत्सम शब्द म्हणल्यार संस्कृत भाशेंतले शब्द. as it is word from sanskrit used in Konkani without change eg. ब्राह्मण वा तटस्थ आदी. जांचो खंयच्याय भाशेंत तशाक तसो वापर जाता अशे तरेच्या शब्दांक तत्सम शब्द म्हणटात. त्या शब्दांचें मूळ रूप आसा तशेंच उरता. तातूंत बदल जायना.[२२] सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांतल्या तत्सम शब्दांचो सोद घेवंया. 'कमंडलूंत' प्रतिश्ठा, प्रवचन,

प्रार्थना, व्याख्या, परिभाशा, संकल्पना, बुद्धी, राजा,[२३] अंतस्कर्ण, वास्तुशिल्पज्ञ, निष्काम, निर्व्याज, चैतन्य इंद्रीय, जागृत, वात्सल्य, गुरुत्वाकर्षण, चार्वाक, निर्गंधी, विवस्त्र, प्राक्तन, परभृत, चिरायुष्यी, चिरंजिवी, निर्माल्य, संतृप्त, उर्ध्वमुख, निष्पर्ण, विरामचिन्न, प्रकृती, शृंगार, समृद्ध, शुभ, शुचिर्भूत, मातृत्व, निस्तेज, विवाह, नतमस्तक आनी उन्नतमस्तक[२४] क्लेश[२५] नातिचरामि [२६]अतिपरिचयात् अवज्ञा हें संस्कृत सुभाषित.[२७] अशे तरेन संस्कृत सुभाषित आनी शब्दांचो वापर साहित्यांत नदरेक येता. अशे तरेन सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधकारांनी तत्सम शब्दांचो प्रयोग निबंध संग्रहांनी केला. ह्या शब्दांचो समाजीक नदरेन समाजांत वापर जाता. आदर्श[२८] रंग[२९] नक्षत्रां, दुःखां, अमृताच्या, कर्तुत्वदशेच्या, भुंयेंत, पवित्र, वस्त्रां, शास्त्रां, भावार्थी, कौतूक[३०] अनुराग, धार्ष्ट, त्वेष, मुद्रेन[३१] अन्याय, इतिहास[३२] भ्रमिश्ट, अंतस्कर्ण, सरंक्षण, कृत्रीम, आनंद, मीलन, आक्रमक, क्रूर, मत्सर, अहंकार, मद, गर्व, मूर्ख, समस्या, प्रलय, असामान्य, प्रवचन, धन्यवाद, दानधर्म, उपास, अनुभूती, नमस्कार, असामान्य, क्लेश, गत्यंतर, निरोगी, बहुश्रुतताय, उत्पत्ती[३३] अभिमानान, अकस्मात अभिशेक, व्यथा, प्रचिती, अदृस्ट, सात्विक, उद्गार, मार्ग, अधोगती[३४] सुशांत, वीर, समाधी, मनसोक्त, सर्ग, अचेतन, अभिमुख, सन्मुखता, विषबाधा[३५] विस्मीत, व्यभिचारी, मुक्त, आत्मनिर्भर, व्यायाम, व्रत, आख्यायिका, वाद, स्वावलम्बी, परावलम्बी, निवृत्त, प्रज्ञावादी[३६] अन्याय, क्रांती, अत्याचार, शोकान्तिका, अबला, निराधार, आकांक्षा, स्वतंत्र[३७]

## तद्भव शब्द

सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधांनी तद्भव शब्दांचो प्रयोग जाला.[३८] तद्भव शब्द म्हणल्यार कितें तें समजून घेवंया. तदभव म्हणल्यार Mutated words from sanskrit used in konkani eg. भास, उश्ण, तत्वगिन्यान, देवकारें आदी.[३९] तद्भवीकरणाक लागून उश्णीं उरतां घेवपी भाशेच्या सभावाकडेन भोव बरे तरेन जुळोवन घेतात. (हाका adaptation म्हणटात) हातुंतल्यान नवे भाशेंतलीं तांगेलीं पाळां मुळां घट्ट जातात. जायते फावटी उशणीं उतरां भाशेकडेन इतलीं फिशालकायेन जुळोवन घेतात की तांगेल्या नव्या रुपांनी मूळ रुपांची सुलूस सोंपेपणान मेळनात.[४०] तद्भव शब्दांचो सोद घेतना कांय कडेन संस्कृत शब्द मराठींत आनी मागीर कोंकणींत त्या शब्दांचें तद्भवीकरण जल्लें नदरेक आयलां. ते पासत मराठी शब्दाचें

वा संस्कृत शब्दाचें तद्‌भवीकरण जाता. देखीक - गांव, रावता[४१] अशे तरेन तद्‌भव शब्दांचो प्रभाव कोंकणी निबंध साहित्यांत नदरेक येता. तसो ह्या शब्दांचो समाजीक पांवड्यार ह्या शब्दांचें सत्व खाशेलें आसता. सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधांत कांय प्रमाणांत संस्कृत शब्द मेळटात ताची वळेरी अशी आसा. भास, श्राप, भक्ती श्रद्धा, विशाळ[४२], तान, बळिश्ट, दुबाव, रोसाळ, म्होवाळ, बुदवंत, कीर्त, तेजिश्ट, अप्रूप, आत्तां, निर्जाप, वझरो, उपास, पिडेस्त[४३], उमाळ्यान, शिरवंत, घुस्पता, अजाप, निवाडो, कलावंत, कारभार, आद्यस्तांना, हिणयता, पुर्विल्ले, अर्विल्ली, उद्‌गार, निर्वाळो, माथ्यार, कशें, आसा, दिल्या, वाडटा, अपेस, सोदिनात, वांटो, झेलप, कासावीस, जीण, आपलें, न्हय, पातळलां, सोपें[४४], दनपार, कान, न्हीद, रुपेस्त[४५], सभावीक, सोपूत, पावलां[४६], सास्वत, लोकशाय, भित्रो, सन्मथान, आंगार, कुशळताय, घाण, तर्जून, राखण, अवमान, निर्शेणी, अरिश्टां, कोसळूंक, अपेसां, झुजामळ, गुन्याव, सभावीक, अनुकूळ[४७], वाचतात, अवमान, खुशालकाय, आरंबाक, पोसवण, आस्त, पच्छत्ताप, संवसार[४८]

## गांवातले वा ग्रामीण शब्द

कांय लेखकांक गांवांतल्या समाजाचो अणभव घेवचो पडटा ते खातीर तांच्या लिखाणांत कांय प्रमाणांत गांवांतले शब्द दिसून येतात. गांवांतल्या समाजाचे, थंय रावतल्या लोकांचे भाशेंत वेगळें खाशेलेंपण आसता. हे पासत कांय कोंकणी उतरां सदचे जिणेंत वापरांत नाशिल्ल्यान हीं उतरां अनवळखी जातात. इतलेंच न्हय तर हातूंत अशे कांय लेखक आसात जे गांवांतल्या समाजांत ल्हानाचे व्हड जाल्यात हे खातीर तांच्या साहित्यांत गांवांतलो समाज नदरेक आयले बगर रावना. "आळीं" हो शब्द गांवांत वापरतात. गांवांतल्या समाजाचो वेवसाय शेताचेर आशिल्ल्यान ह्या शब्दाचो वापर जाता. झांडांक उदक आडावन दवरपाक माती खणून झाडां मूळांत चर करतात तांकां आळीं म्हणटात. तेच तरेन हीं उतरां पळयात. शाकभाजी, मागीलदार, राखणो [४९] राखणो हें उतर तर गांवच्या समाजांत एकजीव जाल्लें आसा. कित्याक तर शहर राखपाक पोलीस आसता, पूण गांवच्या समाजांत राखण्याची वेगळीच संस्कृती आसा. बाजयेर[५०] तरूय घोव आपलो थंड किरांव, शहराच्या समाजीक जिणेंत न्हवपाच्या जाग्याक बातरूम म्हणटात त्या जाग्यार गांवच्या समाजांत "मोरयेंत" म्हणटात.[५१] शेवणी तरातरांची गीतां आळयतालीं.[५२] हिन्दी ही आमची

राष्ट्रभाशा आशिल्ल्यान कांय लेखकांचेर हिन्दी भाशेचो प्रभाव जाणवता. ताचो प्रयोग तांच्या साहित्यांत पळोवपाक मेळटा.

## हिन्दी भाशेचो प्रभाव

कोंकणी साहित्याचेर हेर भासांचो जसो प्रभाव आसा तसो हिन्दी भाशेचोय दिसून येता. पर्यटकांच्या नदरेन गोंय फामाद आसा. ते खातीर हेर राज्यांतले लोक गोंयांत येतात. ह्या समाजाच्या लोकांलांगी संपर्क भाशा म्हण हिन्दी भाशेचो वापर जाता. मुकेश थळी 'गोंमटें गोंय' ह्या निबंधांत प्रसंग सांगतना ताका आदार दिवपा पासत म्हणींचो वापर करतात ती पळोवया. "अंधे को अंधा मिला, रास्ता कौन बताय"[५३] अशे तरेन गोंयांत सर्रास हिन्दी भाशेचो वापर गोंयच्या समाजांत जाता. हे खातीर ह्या भाशेचो प्रभाव कोंकणी साहित्याचेर नदरेक येता. 'चलो गोवा चलो'[५४]

पुर्तुगेज, मराठी, हिन्दी आनी कोंकणी मेळून भाशेचें फ्यूजन निबंधांत दिसून येता. 'पाणी कोंत्र हैं। थोडा पासियेस लो[५५]।' अजीब ही नहीं, बल्की होशियार भी है आप गोवा के लोग।[५६] हिन्दी भाशेंतलीं ओंपार लेगीत मेळटा. ' हवेली की उमर साठ साल की[५७]' "भैया कुछ दो[५८]

"मुकेशबाबाल्या निबंधांतलें हें वाक्य पळयात. "पूण परिसंवाद नाशिल्ले जाल्यार तांचेर पातयेवन आशिल्ले तमाम लोक आकूळ पिकूळ जावपाचे[५९]' ह्या वाक्यांतलो तमाम हो शब्द हिन्दी प्रभावीत आसा. तुम जीयो हजार बरस... हर बरस के दिन हो पचास हजार[६०] प्रसादों में रहकर बुद्‌धों का निर्माण नहीं हो सकता। उनके लिये खुली वायु चाहिए...।[६१] मुकेशबाबालें हें वाक्य पळयात " कारण म्हाका भंय दिसता पूल मोडत देखून. कारण म्हाका जियेवंक जाय न्हिदपाखातीर"[६२] जियेवंक हो हिन्दी प्रभावीत शब्द आसा रवीन्द्र केळेकार हांचे शिक्षण गुजराती भाशेंत जाल्ल्यान तांच्या साहित्याचेर चड न्हय पूण गुजराती भाशेचो प्रभाव जाणवता. रवीन्द्र केळेकारांचें शिक्षण गुजराती भाशेंत जाल्ल्या कारणान तांच्या बरपांत गुजराती भाशेचो उल्लेख येता. ते खातीर रवीन्द्र केळेकारांच्या साहित्यांत गुजराती भाशा नदरेक येता. मान तमारे हाथ न सोंप्युं केम करी अपमानशो? म्हणल्यार "जाचेर म्हजो मान भौमान आधारुन ना ताच्या हातांत म्हजो अवमान कसो जातलो?"[६३]

हें वाक्य काकासायबान म्हणिल्लें. ह्या वाक्याचो वापर रवीन्द्रबाबान आपल्या साहित्यांत केला. लेखकाचो काकासायबाकडेन घनीश्ट संबंध आशिल्ल्यान हो विचार येता. काकासायबांनी एके कडेन बरयलां "जाचेर म्हजो मान भौमान आधारून ना ताच्या हातान म्हजो अवमान कसो जातलो?" ह्या वाक्याचेर एका कवीन एक सुंदर कवित बरयलां हाचो उल्लेख लेखक करतात. गुजराती भाशेंतली म्हण- "जाग्या त्याथीं सवार." ही म्हण लेखक मनशाच्या संदर्भांत नदरेक हाडटात. मनशान वाट चुकल्यार ताची सुधारणा करपाक जाय कित्याक तर चुकिल्ली वाट केन्ना खरी जायना. ह्या संदर्भांत समाजांतल्या मनशाक जाग हाडपाक आनी योग्य दिशा प्राप्त जावपाक लेखक ह्या म्हणीचो उल्लेख कारता.[६४] वेवसाय धंद्या खातीर गुजराती लोक गोंयच्या समाजांत नदरेक येतात. हे पासत कांय प्रमाणांत गुजराती लोकांचो कोंकणीचेर आनी कोंकणी लोकांचो गुजराती समाजाचेर प्रभाव दिसता. अदेखायी[६५] कामानिमतान हे लोक गोंयांत स्थायीक जाल्ल्यान ह्या लोकांचो कोंकणी मनशां लागीं संपर्क येता.

## पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव

गोंय वाठारांत पुर्तुगेज वसाहत करुन आशिल्ल्या कारणान ह्या भाशेचो कोंकणी भाशेचेर आनी समाजाचेर प्रभाव पडप सहाजीक आसा. पुर्तुगेज जाणा आशिल्ल्या मनशांक नोकरी आनी समाजांत व्हड मान मेळटालो म्हण लोक पुर्तुगेज भास शिकताले. पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव कोंकणी भाशेचेर उरपाचें खर कारण म्हणल्यार पुर्तुगेजांनी कोंकणी कुशीक करून पुर्तुगेज शिकपाचें फर्माण काडिल्लें. ह्या तांच्या फर्माणाक लागून गोंयकार आपली आवय भास सोडून फिरंगी भास शिकपाक लागले. लेखकांनी पयलें वयलें जें साहित्य रचलां त्या साहित्यांत पुर्तुगेज उतरांचो आसपाव आशिल्ल्याचें जाणवता. कांय कांय उतरां कोंकणी भाशेंत इतलीं भरसल्यांत कि हीं उतरां पुर्तुगेज आसात काय कोंकणी हाचेर दुबाव येता. देखीक 'रेश्पैत' हें उतर पळयात. हें उतर गोंयच्या क्रिस्तांव तेच तरेन हिन्दू समाजांत लेगीत घोळिल्लें नदरेक येता. "नवें वर्स" ह्या निबंधांत नव्या वर्साचे संकल्प सांगतना तातूंतल्या एका संकल्पांत ह्या उतराचो वापर जाला.[६६] "कुझनांत" हो शब्द क्रिस्तांव समाजाचो लोक रांदचेकूडी खातीर वापरतात.[६७] अशे तरेन जायत्यो हेर देखी आसात त्यो पळोवया. देमांद, इगर्ज, ज्यार्दीन, सुशेगात, कोंफुझांव, इश्कोल[६८], पात्रांव, पियादां, फोग हाचे वयल्यान फोगोट, रकाद[६९], इंजेसांव[७०] फावोर[७१] जनेलांत[७२] रेपार्तिसांव, रेफार्माद, वॉल्तेर[७३], बुराक,

पासियेंस, कापाझदादी, पेदालां, पिकासांव, कोंत्र, किजिंलां, केस्तांव, फ्राकेज[७४], त्रिबुनालार, जुवीज, पदेर[७५], ओश्पितालां, बोल्सांत, बल्कांवार[७६] अशे तरेचीं पुर्तुगेज उतरां कोंकणी समाजांत उलयतना नदरेक येतात.

## इंग्लीश भाशेचो प्रभाव

कोंकणी निबंध लेखन समाजशास्त्रीय अध्ययन करतना इंग्लीश भाशेचो प्रभाव जाणवता. इंग्लीश ही फिरंगी भाशा आसली जाल्यार लेगीत जंय जाय थंय त्या भाशेचो प्रयोग जाता. जेन्ना हे संग्रह वाचतात तेन्ना अशें लक्षांत येता. जंय लेखकाक गरज दिसल्या थंय लेखकान त्या उतरांचो प्रयोग केला. निबंध साहित्यांत इंग्लीश भाशेचो प्रभाव आसा आनी कोंकणी समाजाचेर लेगीत आसा. देखून हो इंग्लीश भाशेचो प्रभाव कोंकणी निबंध साहित्यांत नदरेक येता. मनोहरराय सरदेसायन रवीन्द्रबाबाचेर कितें भाश्य केलां ताचेर नदर मारूंया. तांच्या प्रमाण रवीन्द्राची भास सहज स्फुरिल्ली - निजाची. तातूंत अडेंचें उतर सोदून मेळचें ना. विचारांचें तें आंगलें. विचारांच्या आंगाक फीट बसपी. भाशेचें हें सादेपण हेंच रवीन्द्राचें व्हडपण. ज्या बरपांतल्यान बरीं उतरां वेगळीं काडुंयेत तें बरप बरें न्हय. रवीन्द्राच्या बरपांतल्यान बरीं उतरां वेंचून वेगळीं काडूंक येनात. ताच्या बरपांतलें दर एकलें उतर जंय आसूंक जाय थंयच आसा.[७७]

फूडें कांय देखी पळोवया- वळेसर ह्या निबंध झेल्यांत 'परम्युटेशन आनी कॉम्बिनेशन' हीं उतरां वापरल्यांत.[७८] लेट देअर बी स्पेसीस इन अवर टुगेदरनेस[७९] मोरेलिटी, इममोरल, येक्सप्रेशन, ऐसेन्सेशियल, इन्ट्रिनसिक[८०] इंग्लीश उतरां जांव हेर इंग्लीश विधानां वापरतना सांबाळून! तुजीं स्पेलींगां, उच्चार चुकतात हाचें भान दवर. कुडींतलें सगळें रगत ह्या दोन सेन्सरांत लागसारच्यान पास जाता. आनी ते दोन सेन्टर टॅस्ट करतात. अशा वेळार उदक पियेना जाल्यार डिहायड्रेशन जावन मनीस मूरूं येता.[८१] टुर्नामेंट, प्रॅक्टीस, ऑफिस, पेपर, बॉर्डर, इडियट, बॉक्स, अँटोमोलॉजिस्टि शास्त्रज्ञ, बिझी, फॅशन, स्टेशन, हॅपी न्यू इयर, कमिटमँट, प्लेन युवर वर्क ऐंड वर्क युवर प्लेन, डिहायड्रेशन[८२], पारजताच्या फुलाचें ग्लॅमर ना ताका. 'इंग्लिशींत रोजांक मोटें सोबीत नांव आसा मेरीगोल्ड, कॉस्मॉपॉलिटन, आर्किटेक्ट, अंडरग्रावंड, व्हिज्युअल मेमरी, नेक, नेकलेस, स्प्रिंग[८३], ग्रँड स्वीप मिडियम, लिटरेचर, सिरियेसली, अनयेम्पलोयमेंट ऑरियेन्टेड, सेवन्टी टाय्मस सेवन, पॅरेझिटीझम, बायपास, रिफायन्ड टेस्ट, ट्रेजडी, ऑटोबायोग्राफी,

स्ट्रेटेजी, पर्सनलीटी, ओवर पावरींग, असोल्ट, व्हायलेन्ट चेन्ज, ग्रेजूअल, स्लोवर, होमोसेक्शुअलीटी, इन्डिपेंडंट, अन्डरस्टेंडींग, व्होकेश्नल, प्रोफेश्नल, इंटेग्रीटी[८४], आवट ऑफ डेट, केरेक्टर फोरमेशन, कोहेशन, इन्फेक्शन, ब्लो ऑफ, सेक्यूलरिस्ट, डिक्टेट, डिह्युमनायजड, सेक्यूरिटी, इन्फ्रास्ट्रक्चर, रिटायर, कोर्ट, ब्युरोक्रॅट, रॅडिकल, कन्झर्वेटिव, इंस्ट्रकशन[८५], ऐटेटुवड, फोसीलायज्ड, इन्टलेक्चूअल, सोलुशन, अनकनवेन्शनल, रेशनल, कोमबीनेशन, रिअलीटी, फेनाटीक, हेपी बर्थडे, नर्वसनेस, इनट्युशन, कंट्रोल, एटीट्युड, सेन्सेशन, इन्टोक्सीकेशन[८६]. अशे तरेन इंग्लीश शब्द वापरल्यात आनी ज्ञानी विद्वानांचे विचार लेगीत दिसून येतात. देखीक- The minority is always right i.e. the minority that is leading the way towards some point at which the majority is not yet arrived..... [८७] The highest type of thinking (wisdom) consists in toning down our dream or idealism with a good sence of humor supported by reality itself......[८८], We are all most unreasonably prone to indoctrination[८९], ग्लॅमर, मेरीगोल्ड, टेस्ट बड्स, कॉस्मॉपॉलिटन, शॉवर, ड्रीम डायरी, मड बाथ, स्टीम बाथ, सौना बाथ, टर्कीश बाथ, बबल बाथ, कॅलिडोस्कोप, कॅनव्हास[९०] हे तरेचीं उतरां ह्या निबंध संग्रहांत मेळटात.

## मराठी भाशेचो प्रभाव

कोंकणी निबंध लेखन समाजशास्त्रीय अध्ययन करतना मराठी भाशेचो प्रभाव जाणवता. कोंकणी साहित्य म्हणलें म्हणटकच ताचेर मराठी भाशेचो प्रभाव दिसता कित्याक तर कोंकणी आनी मराठी हांचो खूब लागींचो संबंद आसा. मुकेश थळी "जाणकार-२" ह्या निबंधांत भुरग्यांविशीं सांगतना जाणकार उलयता. तेन्ना ते म्हणटात एसायनमेंट, होमवर्क, अभ्यासक्रमांत जावपी हवामानासारके बदल हांकां लागून भूरगीं पिशीं जावपाकडेन पावल्यांत तेन्ना "टी.व्ही., व्हिडियो, खेळ, मस्ती हातूंत रमूं दी". अशे तरेचे शब्द वापर करता तेन्ना ह्या वाक्यांतलो रमूं हो शब्द मराठी भशेचो आसा अशें जाणवता.[९१] तेच तरेन वेळे वयल्यो घुलो हातूंत रवीन्द्रबाबान वापरिल्लें अशे तरेचें वाक्य नदरेक येता. "दंताजींचे ठाणे उठले", " एकच प्याला, घरोघर मातीच्याच चुली.[९२] बिनधास्त, सविस्तर, मस्ती, भीड, क्षुल्लक, भानगड, जबरदस्त,

पाल्हाळ, किंमत, मिश्कील, मिजास[९३], जाग, साहसी, सवंग, अफाट, लाचार, उबारी[९४], गर्द, रतनकेशरी, अनवाणी, न्हाणीघर[९५], प्रांजळ[९६], तर्जून, आयुष्यभर[९७], आळशी[९८] अशे तरेन मराठी भाशेचो प्रभाव दिसून येता.

## कन्नड भाशेचो प्रभाव

कर्नाटकाचे कांय कन्नड भाशी लोक मोलमजूरी करपा खातीर कामा निमतान गोंयांत येतात. कन्नड भाशीक लोकांक कोंकणी वाटाराक लागीं आशिल्ल्यान कोंकणी समाजांत ते नदरेक येतात. कांय कन्नड उतरां कोंकणी भाशेंत भरसल्यांत. तेच तरेन कांय लोक पुर्तुगेजां तेंपार स्थलांतरण जाल्ल्यान तांचें कोंकणी कडेन नातें आसा. हालीं कामा निमतान गोंयांत रावतले कन्नड लोक, कोंकणी उलयतना मदीं मदीं कन्नड उतरां वापरतात. दत्ताबाबाच्या "नागव्याची काणी" ह्या निबंधांत हें वाक्य पळोवया. "जो भाकरी दिता तो स्वामी, तो देव ही सिध्दप्पाची सादीभोळी धर्मकल्पना आशिल्ली." स्वामी- म्हणल्यार देव पूण आपल्या मालकाक देवा भशेन मानून ताका स्वामी म्हणप हातूंतल्यान कन्नड समाजाचो प्रभाव जाणवता.[९९] कोंकणी समाजांत मालकाक पात्रांव हें पुर्तुगेज उतर वापरतात.

## उर्दू भाशेचो प्रभाव

गोंयांत उर्दू भाशा उलोवपी मुसलमानी समाज आसा. पूण ह्या समाजाचो प्रभाव कोंकणी समाजाचेर आनी साहित्याचेर चड नदरेक येना. कोंकणी निबंधाचें समाजशास्त्रीय अध्ययन करतना उर्दू भाशेचो प्रभाव आसा हें दिसून आयलां. पूण हो प्रभाव प्रभावी पणान दिसना. दत्ताबाबान "अनवळखीपणाचें सुखदुःख" ह्या निबंधांत वळखी बद्दल उलयतना 'बरकत' ह्या उतराचो वापर करतात. तेन्ना ते म्हणटात "वळखीन फावोर लागता. वळखीन वेपार उद्योगाक बरकत येता[१००]" बरकत हो शब्द कोंकणी इंग्लीश शब्द कोशांत आसा पूण हो शब्द मुळावो उर्दू. मैफलीक[१०१] अशे तरेन उर्दू भाशेचो प्रभाव दिसून येता.

## म्हणी आनी ओंपारी

ह्यो म्हणी आनी ओंपारी भाशेचें लालित्य वाडयतात. म्हणी आनी ओंपा-यां खातीर भाशेचो सुवाद वाडटा. डॉ स्मिथ प्रमाण[१०२] कांय फामाद वाक्यां आमच्या उलोवपांच्या भाशेंत मिसळल्यात हांकां घडये म्हणी ओंपारी म्हणू येता.[१०३] लेखकांच्या समाजीक निबंधांनी म्हणी आनी ओंपरी नदरेक येतात. वेळे वयल्यो घुलो ह्या निबंधांत रवीन्द्रबाब देशाचे परिस्थिती संबंधांत डॉ लोहिया कडेन भासाभास करतात. तेन्ना देशाच्या परिस्थितीचेर खंत उक्तायतना अशे तेरेची म्हण दिसून येता. "तान लागतकूच बांय खणपाक वचपी लोक आमी."[१०४]

रवीन्द्रबाब ओथांबे ह्या निबंध संग्रहांत कर्तुत्वी मनशां विशीं उलयतना अशे तरेच्या म्हणींचो वापर करतात- "रोयले बगर लुंवंक येना[१०५]

"पांडुरंगबाब लुई पाच्श्रेर, एमील झोला हांच्या जिणेचेर निबंधांत भासाभास करतात. त्या वेळार जीव दिवन काम करपी आज कमीच मेळटात हाचेर खंत उक्तायतना अशे तरेच्या म्हणींतल्यान आपले भाव उक्तायतात. 'ते पोदेर गेले आनी ते उंडें गेले, उल्ल्या ती बेडगी, पितळेचें भांगर'[१०६]

हुंदराक पळोवन माजरान कुशीक सरचें, साकरेची सुरी घेवन दुस-याचो गळो कापप, हांतरुण पळोवन पांय पसरप, वारें येता तशें सूप धरप, कंडो बरो हालूंक जाय, नडणी खंयूय पावूं[१०७] अशे तरेन लेखक गोंयच्या समाजाचो सभाव आनी मानसीकताय सांगता.

## ५.२ शिल्प - अर्थ, परिभाशा आनी प्रभाव

निबंध साहित्याक शिल्प सामकें गरजेचें आसता. पुराय निबंध शिल्पाचेर आदारून आसता. शिल्प प्रभावी आसल्यार पुराय निबंध प्रभावी जाता. वैदिक कोश अंतरगत 'शिल्प' कौषीतकी ब्राह्मण २९.५ हातूंत कले खातीर आयला हाचे तीन प्रकार आसात नृत्य, गीत आनी वादित.[१०८] इंग्लीश विद्वान सर मौनिअर विलियमान आपल्या संस्कृत इंग्लीश शब्दकोशांत शिल्पाचें अशेतरेन अर्थ दिल्यात.

१. कलात्मक कार्य.

२. खंयचीय हस्तकला, यांत्रिक वा ललीत कला (६४ कला).

३. काव्य, संगीत, अभिनय, नृत्य आदि.

४. खंयचीय कला, शिल्प वा कलाकार्य कौशल.

५. रूप आकृति[१०९] शिल्पाचो कलेच्या रूपांत मैत्राणी उपनिषदांत पयले खेप प्रयोग जालो. ताचे उपरांत रामायण, कौटिल्य अर्थशास्त्र - संगीत आनी नृत्य आनी भरतमुनिच्या नाट्यशास्त्रांत.[११०] आधुनिक हिन्दी साहित्यकार वा आलोचक शिल्प शब्दाचो इंग्लीशींत अशे तरेन प्रयोग करतात. आर्टीस्ट्री, क्राफ्ट, एक्सप्रेशन, सेटिंग, फॉर्म, स्ट्रक्चर, कन्स्ट्रक्शन, डिजायन, टॅक्नीक.[१११]

शिल्पाचो शाब्दीक अर्थ आसा. 'टेकनीक' म्हणल्यार शैलीपरस चड अशे तरेचें व्यापक उत्पादन जाका लागून रचनाकार आपल्या भावनांक खंयच्याय खाशेल्या तरेन व्यक्त करूंक शकता.[११२] आलोचकांनी शिल्प शब्दाक आपले दृश्टीन कशे तरेन परिभाशीत केलां तें पळोवया. खंयचेय भावनेक एक निश्चित रूप दिवपाक जें विधान प्रस्तूत करतात तेच कलेंत शिल्प-विधा आसता.[११३] कलाकाराच्या अनुभूतिक आनी चिन्तनांक अभिव्यक्त करपाचे साधनेक शिल्प म्हणटात.[११४] प्रकृतीकडल्यान प्राप्त सामग्रीक जे तरेन कला सजोवन प्रस्तूत करता, तेच तरेन कदंबरीकार विशय घटना वा प्रसंगांक शिल्पाच्या आदारान सजयता.[११५] समीक्षकांनी शिल्पाक जायत्या दृश्टीकोनांतल्यान परिभाशीत करपाचो प्रयत्न केला. कलाकारांची अनुभूती आनी चिन्तनांक अभिव्यक्त करपाच्या साधनांक शिल्प म्हणूं येता[११६] जाल्यार खंयच्याय भावांक एक निश्चित रूप दिवपाक जें विधान प्रस्तूत करतात, तीच त्या कलेची शिल्प विधा आसता.[११७] हिन्दी शब्द कोशांत शिल्पाचो अर्थ पळोवया.

१. बृहत हिन्दी- कोश हातूंत असो अर्थ दिला. "कला आदि कर्म (वात्स्यायन ने चौंसठ कलाएँ गिनाई है।) उसी प्रकार हुन्नर, कारीगरी, स्त्रुवा, दक्षता, हस्तकर्म, रूप, आकृती, निर्माण, सृष्टि, धार्मीक कृत्य, अनुष्ठान आदि"

२. हिन्दी शब्द सागर- हातूंत "हाथ से कोई चीज बनाकर तैयार करने का काम, दस्तकारी, जैसे बरतन बनाना, कपड़े सीना, गहने गढ़ना आदि। कला सम्बन्धी व्यवसाय, दक्षता, कौशल, चातुर्य, रचना, आकार, आदि।"

३. हिन्दी व्युत्पत्ति कोश "शिल्प यह शब्द (शील् + प) से बना है- उसका अर्थ है- हस्तकला दस्तकारी आदि।"[११८]

शिल्पाचो पुराय अर्थ दिल्या उपरांत सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांचेर विचार करूंया.

रवीन्द्रबाबाचे "सांगाती", "ओथांबे (चिंतनां)", "वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां)" ह्या निबंध संग्रहांचेर शिल्पाक धरुन संग्रहाचें मोल पळयलें जाल्यार शिल्पाचे नदरेन हे निबंध संग्रह योग्य आसात. कित्याक तर ह्या संग्रहांत ल्हान ल्हान तत्वां आसात. पूण ह्या तत्वांचो विचार व्हड आसा. देखीक- रवीन्द्रबाबालो "वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां)" ह्या संग्रहांतलो हो विचार पळयात. "आयुष्य सोंपचे पयलींच जो मनीस जीव दिता- तो मगीर केदोय व्हड मनीस आसूं- म्हजे तकलेंतलो देंवता"[११९]

हो विचार समजपाक कितलो सोपो. कोणाय वाचप्याक तो रोकडोच समजतलो, पूण ह्या विचारांत जायतें ज्ञान आसा. देवान आमकां जीव दिला पूण तो सोंपोवपाक आमकां अधीकार दिवंक ना. जिणेची जोत जेन्ना पालवपाची आसता तेन्नाच ती पालवता. अशेच तरेचो खोल विचार वाचप्याक दिता पांडुरंग भांगी हांचो "उतरांचो संवसार" हो निबंध संग्रह. शिल्पाच्या नदरेन सोद वावराचेर विचार करता तेन्ना हो निबंध संग्रह सुंदर दिसता. देखीक भांगीबाबांली 'उतरांचो संवसार' निबंध संग्रहातली ही देख " न्हवरोय मोनो आनी व्हंकलय मोनी अशी ह्या दिसांत आमच्या सरकराची अवस्था जाल्या"[१२०] अशे तरेन न्हवरोय आनी व्हंकलय सरकार आनी सामान्य मनशां मदली जी कसरत जाता ताचेर प्रतीक स्वरुपांत उजवाड घालपाचो यत्न लेखकान केला. ह्या निबंधांत समाज प्रबोधन करपाचे विचार आसात. जे समाजा खातीर फायदेशीर पडूं येतात. भांगीबाबांली 'उतरांचो संवसार' निबंध संग्रहातली ही देख. "भाशेच्या नांवार एकामेकांच्यो तकल्यो फोडूंक फावनांत. आज देशांत विखंडतायेची प्रवृत्ती मातून आयल्या. ही प्रवृत्ती अशीच चल्ली जाल्यार ती आमचो घात करतली. देशाचो फुडार भंगतली"[१२१] अशे तरेन भाशेच्या नांवार जो समाजांत कांय लोक उच्छाद मांडटात तांच्या पासून सामान्य लोकांक जागे करपाचो यत्न लेखकान केला. दत्ता नायक हांचो "जाय काय जूय?" ह्या पुराय निबंध संग्रहातलें शिल्प चड भावनीक आनी व्याकूळ करपी अशें जाणवता. "दोन-चार दिसांचें दुखणें. माजराच्या पावलांनीं येवन तें दुखणें दावकूल मारून मंदाराक

व्हरता. मंदाराचे जिणेचो कवाथो रुजून येवचे पयलींच मरण ताचे माणकुले जिणेचो मुरींग बाकाबका करुन खावन वडयता. फुलचे पयलींच एक रंगीत सत्री पालवता. परीजात, गौतम, विनता, नम्रता, जास्मिन आनी जेनिफर सदचेभशेन दरांत जमतात. शाळेची बस येता आनी तांकां व्हरता. त्या भुरग्यांमदीं मंदार नासता. म्हजो माणकुलो इश्ट मंदार! खंय गेलो मंदार? मंदर गेलो, वतां वतां म्हजेंय भुरगेपण घेवन गेलो. म्हाका जाण्टो करुन गेलो. आतां सकाळ जाली की दार उगडून भायर वचपाचें काळीज म्हाका जायना. घरांत बसून हांव सकाळचो पेपर वाचतां. किलकिल्या दोळ्यांनी जनेलांतल्यान भुरगीं म्हाका पळयतात. तींय आतां दार उगडून भितर येनात[१२२] लेखक मंदाराखातीर भावनीक जाल्लो नदरेक येता तेच तरेन मंदार आतां केन्नाच दोळ्यां सामकारा येवचो ना म्हण तांची व्याकुळताय जाणवता.

मुकेश थळी हांचो "वळेसर" हो निबंध संग्रह ह्या निबंध संग्रहाचें शिल्प सुंदर आसा. देखीक मुकेशबाबालो "हा ऽ हा ऽऽ हा!" हो निबंध. हो पुराय निबंध हांसपाचेर आसा. "हांसपाचे वेगवेगळे ढंग आनी प्रकार पुर्विल्ल्या साहित्यांत दिसून येतात. रावणाचें हांसप पाजी. राम गंभीर हांसतालो. कुभकर्णाचें हांसप म्हळ्यार कुपांचो गडगड. श्रीकृष्ण मिश्कील हांसतालो, जाल्यार दुर्योधनाचें हास्य सदांच विकट. तात्पर्य हांसप हें भौरंगी आनी भौढंगी आसता. गोड, कोडू, आंबट आनी सुके अशेय हास्याचे प्रकार आसात. दूरदर्शनाचेर खबरो सांगपी, खबरो सांगून जातकच जें हास्य दिता, तें हांसप सुकें आनी निर्जीव."[१२३]
अशे तरेन लेखक हांसपाची समजणी दितात. हे निबंधांच्या शिल्पांत जायती समाजीक म्हायती दितात. समाजांतल्या ब-या वायट मनशांच्यो वृत्त्यो-प्रवृत्त्यो सांगपाचो यत्न लेखक करता. देखीक "मदाचें दुर्येस" ह्या निबंधांत "अहंकार, गर्व, मद, तोरो, ताठो, अभिमान, मिजास, मोटेपण हे सगले एकाच कुटुंबांतले. कलाकार, साहित्यीक, गायक, विद्वान, विज्ञानी तो कोणूच जावं, मनशाक एकदां अहंकाराची नशा चडली की तो पुराय सोंपता; तो आपलो विनय- विवेक वगडावन बसता."[१२४]

ह्या अवतरणांतल्यान मनशाचो मद मत्सर नदरेक येता. आनी तेच तरेन रवीन्द्रबाब समाजाचें प्रबोधन करतात. "समाजांतले अन्याय पयस करपा खातीर वावरूंक लाग; परंपरेन चलत आयिल्लें नश्टें, पाडें, कुस्कें ना करपा खातीर मुखार सर; चुकिचे वाटेन चलतल्यांक कानाक धरून नीट वाटेर हाडपाचो यत्न कर; लोकांक नवे विचार दी, समाजांत नवीं मुल्यां चलय[१२५]."

## ५.३ शैली - अर्थ, परिभाशा, प्रकार, गूण आनी प्रभाव

शैली शब्दाची व्युत्पत्ति संस्कृताच्या शीलं (शील) हातूंतल्यान मानतात. शीलं हाचे जायते अर्थ जातात- स्वभाव, लक्षण, संवंय, चरित्र आदि हातूंतल्यान शील शब्द व्यापक आशिल्ल्याचें जाणवता. शब्द कोशा प्रमाण शैली-चाल, ढंग, प्रणाली, रिती, प्रथा आनी वाक्य रचनांचे वेगवेगळे प्रकार.[१२६] शैली म्हणल्यार इंग्लीश भाशेंत style जाता. ऑक्सफोर्ड इंग्लीश डिक्शनरींत हाचे पंचवीसांवयर अर्थ दिल्यात. हो शब्द मूळ ग्रीकांतल्यान (stylos) लैटिनाच्या (stylus) हाचेलागीं संबंधीत आसा. लैटिनाच्या (stylus) साकून (style) ची व्युत्पत्ति जाली. फूडें मागीर स्टाइलाचे जायते अर्थ विकसीत जाले. बरोवपाची तरा, बरयल्लें साहित्य, बरोवपाच्या खाशेलपणाची अभिव्यक्तिची विशिश्टताय, साहित्यिक रचनांची रुपगत विशेशताय, उलोवपाची पद्धत रिति वा प्रथा, खंयच्याय कलाकाराच्या रचना पद्धतीची विशिश्टताय वा खंयचेंय युग, जात, देश वा वर्ग विशेशाच्या रचना पद्धतींची विशिश्टताय.[१२७] निबंधांत निबंधकाराच्या शैलीक मुखेल महत्व आसता. शैली वयल्यान खंयचो साहित्य प्रकार तें सांगूं येता. अशे तरेन शैली साहित्य प्रकारां पासत काम करता. निबंधकार आपल्या शैलींत निबंधांची रसपूर्ण अभिव्यक्ती करता. हेच खातीर शैलीचें महत्व आसा आनी ते खातीर शैलीचे वेग वेगळे प्रकार मानतात.[१२८] Anatole France प्रमाण शैली ही सूर्याच्या वता भाशेन. ती दिसपाक रंग नाशिल्ली. पूण तातूंत सातूय रंग आसातात[१२९] रोलाँ बार्त हांच्या मता प्रमाण कलाकृती ही संहितेच्या नदरेन स्तरबद्ध (layered) आसता. कलाकृतींतलो प्रत्येक स्तर हो संहितेच्या घटकांनी साकारलेलो आसता. अशा सगळ्या संहितानिश्ट घटकांची एकता म्हणल्यार शैली अशें ते स्पश्ट करतात.[१३०] साहित्यकृतीच्या भाशेंत मोघम स्वरूपांत उलोवप इतलीच शैलीविचाराची व्याप्ती आसता.[१३१] त्रिपाठी प्रमाण शैली साहित्यकाराच्या अभिव्यक्ति प्रणाले खातीर आसता.[१३२] हिन्दी साहित्य कोशांत शैलिची परिभाशा अशी दिल्या. शैली अनुभूत विशय वस्तूंक सजोवपाचें वा त्या पद्धतीचें नांव आसा. जो त्या विशय वस्तूच्या अभिव्यक्तिक सुंदर वा प्रभावपूर्ण करता.[१३३]

एरिस्टॉटल - शैलींतल्यान विणीत वैशिश्ट्य (चमत्कार) चो समावेश जाता.

गटे - खंयच्याय लेखकाची शैली ताच्या मस्तिश्काची खरी प्रतीलिपी आसता.

चेस्टरफील्ड- शैली विचारांची वेश-भूशा आसा.[१३४]

व्हिपले - शैली लेखकाच्या व्यक्तित्वाचें घनिश्ठ वा अविभाज्य तत्व आसा.[१३५]

'मरे' हांणी आपल्या पुस्तकांत Problem of style शैलीच्या तीन मुख्य अर्थांचेर विचार केला.

लेखकाच्या अभिव्यक्ति वेल्यान वळखूंक येता. (The Personal idiosyncrasy of expression by which we recognise a writer)

अभिव्यंजनांच्या विधानांच्या अर्थान - (The technique of expression)

साहित्याच्या उच्चतर निधिच्या अर्थांतल्यान (style is the highest achievement of literature)[१३६]

संस्कृत विद्वानांनी शैलीक रीती म्हणल्या. जाल्यार आचार्य वामन हांणी काव्यलंकार सूत्रांत रितीक विश्लेशीत करतना तातूंत विशिष्ट पद रचना सांगल्या.[१३७] बर्नार्ड शॉ प्रमाण - प्रभाव पूर्ण अभिव्यक्ति शैलीचो अर्थ आनी इति आसा.[१३८] डॉ श्यामसुंदरदास प्रमाण लेखक वा कविची शब्द योजना, वाक्यांचो प्रयोग, वाक्यांची घडण वा ताच्या ध्वनिचें नांव शैली आसा.[१३९] शैलीचो संबंध शीला कडेन जांवं येता. वैदिक काळांत हाचो प्रयोग जातालो. शैलीचो संबंध स्वभावाकडेन जोडिल्लो आसतालो. प्रकटीकरण प्रणालीच्या रूपांत 'रिती' शब्द संस्कृत साहित्य शास्त्रांत चड प्रचलीत आसा. खरें म्हणल्यार शैली भाशांच्या माध्यमांची अभिव्यक्तीची पद्धत आसा. शैलीचें विशिश्ट रूप आसता.[१४०]

कैम्पवेल उबडले प्रमाण ब-या टेकनीकेचो अर्थ आसा. सारकी खबर, सारकी तरा फाव त्या वेळार, असो विशय वेंचचो जो तुमकां आवडटा, तातूंतल्यान असल्या शैलीचो वा टेकनीकेचो आधार घेवप जो वाचप्याक मार्मिक तरेन कळूं येता. खंयच्याय कृतींत कांय अशो गजाली आसतात ज्यो वाचप्यांच्या मनांत आसतात. ताच्या भायर तो सगळें विसरता. निश्चित रूपांत तें अनावश्यक आसा. पूण त्या अनावश्यकाक आवश्यक करपाक ताका कलेच्या आंगांन उपयुक्त रूप दिवपाचें कार्य शिल्प करता.[१४१]

निबंध संग्रहांत लेखकाक वास्तवीक अभिव्यक्तीचें रूप पळोवपाक मेळटा. जातूंतल्यान समाजाचें पडबिंब पळोवपाक मेळटा. खंयचोय लेखक जेन्ना आपलें साहित्य रचता आनी बरो वाचपी त्या साहित्याचेर लेखकाचें नांव वाचना आसतना तें साहित्य अमूक एका लेखकाचें जावन आसा हें सागता. जाल्यार साहित्याची योग्य वळख वाचपी करूंक शकतात. कित्याक तर जण एका लेखकाची आपली अशी खाशेली शैली आसता. केन्नाय अशें दिसून येता जणू काय तो लेखक उलयता. हीच लेखकाची खरी

वळख, ती म्हणल्यार लेखकाची शैली. जी वाचप्याक त्या लेखकाची वळख करून दिता. वेगवेगळ्या लेखकांचेर ल्हानपणासावन वेगळे वेगळे प्रभाव पडिल्ल्या कारणान हें घडटा.[१४२] शैली म्हणल्यार लेखकाचें व्यक्तिगत खाशेलेंपण. लेखकांच्या स्वताच्या भाशे विशीं खाशेलेंपण आसता.[१४३] शैलीच निबंधांत प्राण घालता आनी ताका व्यक्तित्व प्रधान करता. जण एक लेखक आपली साहित्यीक बाजू आपले तरेन वाचप्या मुखार दवरता. ह्याच तरेक शैली म्हणूं येता. प्रत्येक लेखकाच्या शैलीचें वेगळेपण आनी खाशेलपण आसता.[१४४] शैलीचो अर्थ समजून घेवंया. शैली म्हणल्यार 'स्टाइल' इंग्लीश भाशेचो अणकार आसा. इंग्लीशीच्या साहित्यीक प्रभावा खातीर हिन्दी भाशेंत ताचो प्रभाव दिसता. शैलीचेर प्लेटोचें कितें विचार आसा तें पळोवया.

जेन्ना लेखक विचारांक तात्विक रूपकार दितात, तेन्ना शैलीचो उदय जाता.[१४५] शैली - प्रो. मरे प्रमाण - "Style is a quality of Language which communicates precisely emotion or thought ... peculiar to author" म्हणल्यार शैली भाशेचें अशेतरेचें खाशेलेपण आसा जें लेखकाचे विशिश्ट भाव वा चिन्तन योग्य रूपांत अभिव्यक्त करता. [१४६] डॉ लक्ष्मीसागर वार्ष्णेय प्रमाण लेखक आपल्याक प्रकट करपाक प्रभावपूर्ण आनी कलात्मक प्रयत्न करता ताका शैली म्हणटात. लेखन, ज्ञान, भाव, कल्पना, कला हांच्या मिश्रणांत साहित्य निर्मणींत शैलीचें महत्व आसा.[१४७] कोंकणी भाशेच्यो ज्यो शैली गोंयांत आसात तेंवूय गोंयच्या कोंकणी साहित्यांतलें खाशेलेपण. देखीक - पेडणेची शैली, साश्टी क्रिस्तांवांची आनी हिन्दू शैली, अंत्रुजेंतली शैली.[१४८] अशो वेगवेगळ्यो शैली निबंधाचें खाशेलपण वाडयतात.

शैलीगत विश्लेशणाच्या संबंधांत आनीक कांय दृश्टीकोन आसात.

शैली म्हणजे आशयावयलें वेष्टन.

शैली म्हणजे आविश्काराच्या संभाव्य पर्यायाची पर्यायांतर्गत निवड.

शैली म्हणजे लेखकाच्या व्यक्तीगत खाशेलेपणाचो संच.

शैली म्हणजे विशिश्ट काळांतील शैलीविशेशांचो संच.

वाक्यांतर्गत घटकांचो परस्परसंबंधांचो आनी वाक्यावाक्यांतल्या संबंधांचो विचार म्हणजे शैली.[१४९] शैलीच्या व्याख्ये विशीं जायत्या लेखकांचे मतभेद आसात. कोण रिती म्हणटात, कोण शैली म्हणटात तर कोण कलात्मक अभिव्यक्ती म्हणटात. शैली म्हणल्यार लेखकाची साहित्य बरोवपाची एक विशिश्ट तरा आसा.

## शैलीचे गूण

### ओज

निबंधांच्या भाशेंत ओज गूण आस्पाविल्लो आसता. अशे तरेची भाशा जातूंतल्यान स्फूर्ती आनी उत्साह मेळूं येता वा वाडूं येता. रौद्र आनी वीर रस संचारूंक लागतात. ह्या संदर्भांत डॉ गंगा प्रसाद हांचे कितें विचार आसात ते पळोवया. 'जिसे पढ़कर जोश एवं उत्साह में वृद्धि हो, अंग -प्रत्यंग फड़कने लगे, प्राण में संचार होने लगे। उग्रता और आवेश अपनी प्रमुखता बताने लगे वही रचना ओजपूर्ण रचना कही जाती है।'[१५०] देखीक रवीन्द्रबाबांचें ओथांबे निबंध संग्रहांतलें अवतरण. "हालीं आनीक एक गणीत होलमलां. खंयचेंय काम हातांत घेवचे पयलीं तें घेवचें काय घेवचें न्हय, हाचो विचार करचो. एक फावट हातांत घेतकूच तें तडीक व्हरपाचो मनांत नित्शय आसत जाल्यार, तें कामूच तुका आपणाल्या हातांत घेतलें. तुका स्वस्थ बसूंक दिवचें ना, तुका कामाक लायतलें."[१५१]

### माधुर्य

अशे तरेचे निबंध जातूंतल्यान मन प्रफुल्लीत जाता.[१५२] देखीक दत्ताबाबाच्या जाय काय जूय? ह्या निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण. "भाव भयणीचें नातें हें जाये जुयेच्या नात्याभशेन सुवासिक. भावभयणीच्या नात्याक कृष्णपक्ष ना. भावभयणीच्या नात्याक उमास ना भावभयणीच्या नात्यांत सुकती ना. भावभयणीच्या नात्यांत भैरवी ना[१५३]."

**प्रसाद**

प्रसाद हो गूण निबंधांत सरळता आनी स्पश्टता दाखयता. हातूंत बोधूय आसता आनी भाव आसता.[१५४] देखीक रवीन्द्रबाबांच्या ओथांबे निबंधातलें हें अवतरण "आपूण व्हड जावचो अशें सगळ्यांकूच दिसता. दिसुंकूय जाय. वयावयल्या भुरग्याक तर सगळ्यांत चड. जाका व्हड जावपाचो हावेसूच ना, तो केन्ना व्हड जावंक पावना. आत्मसंतुश्ट वा अल्पसंस्तुश्ट केन्नाच व्हड जायना. खंयच जावंक पावना. व्हड जावपाचो हावेस जण एकल्याक आसचो आनी व्हड जावपाचो यत्नूय जण एकल्यान करचो. जाका हो हावेस आसा, ताका दुशण दिवप समा न्हय. पुणून व्हड जावप म्हळ्यार कोणा परस व्हड जावप?"[१५५]

फूडें भांगीबाबांल्या निबंधांतलें हें अवतरण. "सुखाचो भाग दिवंचो. दूख्ख मात आपणें एकल्यानच सोंसचें. सुखाचो भाग दिल्यार सुखाचो आनंद शतपटीन वाडटा. दुख्खाचो भाग दिवंक गेल्यार दुख्खाचो फार्स जाता."[१५६] मुकेशबाबाली शैली "वळेसर" ह्या संग्रहांतलें हें अवतरण. "गोंयचे फोन विचित्र. मडगांवसावन बाणावले एकदां फोन लागना, पूण कुवेताक मात सहज लागता, पणजेसावन आल्तिन्याचेर फोन केल्यार बोबो, हुयेली, आड्ड्यो मारल्यार लेगीत दुसरेवटेन आयकूंक येना. पूण पयरूच हांवें म्हज्या एका इंजिनियर इश्टाक पणजेसावन जर्मनीक फोन केलो, तेन्ना ताच्या घरांतलो भुरग्यांचो कुलकुलाट तशेंच भायल्यान वचपी मोटारींचो घरघर स्पश्ट आयकूंक आयलो. फोनाच्या बिलांविशींय जावपी घोळ आनी अनिश्चितताय तर विचारूंच नाका!"[१५७] अशे तरेन शैली लेखकाची वखळ आसता. शैलीचे प्रकार अशे आसात सहज-सरल, विचित्र आनी मिश्र अशे तीन प्रकार आसात. प्लेटोन मिश्र शैलीक उत्कृश्ट मानल्या. ते विचित्र शैलीक निकृश्ट मानतात, ही शैली भुरग्यांक, आनी ग्रामीण लोकांक मानवता.[१५८] वेगवेगळ्यो शैली जाणून घेवंया आनी तांचे नमूने पळोवया.

हे तिनूय गूण सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांनी आसात.

पाश्चात्य विद्वानांनी जो भेद साहित्याच्या शैलींत मानला ताचेर बारीक नजर मारुंया. प्लेटो शैलीचे तीन - Plain- सरळ, विचित्र आनी Mix- मिश्र. एरिस्टोटल - Literary Style- काव्य शैली, Controrecsiad Style- वाद शैली. सिसेरो आनी होरेस हांणी दोन- Attic- एटिक आनी Asiatic-

एशियाटिक. डायोनिसिस हांणी तीन Ostiyae-कठिनोदात, Smooth- मृदु, Mix- मिश्र. डिनोस्ट्रियस हांणी चार Plain Style- सरळ, Powerful Style - तीव्र, Polished Style - ललित शैली, Stately Style- उदात्त. हांच्या विकृत रुपांत शिथिल - Frigid style, कृत्रिम शैली- Affected Style, नीरस शैली -Arid style, अरोचक शैली -Disagreeable Style, क्विंटिलियनान तीन मानल्यात Attic- एटिक, Asiatic- एशियाटिक आनी Rhodian - रोडियन, अशेच तरेन जॉन्सन चार शैली मानता आनी पोप तीन प्राकर मानतात. असो भेद जावपाचीं कारणां जायतीं आसात. देखीक - भौगोलीक, वस्तु, विशय आनी व्यक्तित्व. ह्याच शैलीचें विभाजन पाश्चात्य साहित्यांत मानतात.

Plain Style - सरळ शैली, Terse Style - संक्षिप्त शैली, Picturesque Style - चित्रात्मक शैली, Forsible Style - ओजस्वी शैली, Humours Style - विनोद शैली, Ruphursm Style - मधुर शैली, Metaphysical Style - अध्यात्मिक शैली.[१५९]

## वेगवेगळ्यो शैली

### वर्णनात्मक शैली

कथावस्तू, पात्र, स्थितीचें वर्णन, भूत, भविश्य, वर्तमान संबंधीत, वैचारीक दृश्टीकोण आनी विवेचन वर्णनात्मक शैली अंतर्गत येता. वर्णनात्मक शैली सरळ आसूं येता वा विवरणात्मक आसूं येता.[१६०] देखीक दत्ताबाबान बरयल्ली "जाय काय जूय?" ह्या निबंधांतली ही खिस्त. "गोलघुमटाचें तशें न्हय. गोलघुमट एक फावट पळवन समाधान जायना. गोलघुमट फाटल्यान पळोवचो न्हय. गोलघुमटाच्या फाटल्यान वचचें. मात्शें उजवेकडेन रावचें आनी सरते आमोरेर सरत्या उजवाडाच्या काळखांत गोलघुमट पळोवचो."[१६१] अशे तरेचें वर्णन निबंधांत मेळटा.

## आत्मनिवेदनात्मक शैली

हे शैलींत चड करून आत्मकथनात्मक शब्दांचो प्रयोग करतात. पात्र फक्त आपली कथा सांगना पूण ताच्या परिप्रेक्षाच्या सगळ्या उपादानाचें बारिकसाणेन भावपूर्ण निवेदन करता.[१६२] रवीन्द्रबाबाल्या वेळे वयल्यो घुलो ह्या निबंधांतलें हें अवतरण. "मुंबयंत म्हजो सकाळ पसून सांजवेळ मेरेनचो पुराय दीस काकासायबांसरींच बसून वता. केन्ना ते पत्रां 'डिक्टेट' करतात. (तांकां हातान बरोवपाची संवंय ना.) तांकां मेळपा खातीर जाल्यार लोक एक सारको येत आसता. तांच्यो खबरी आयकतां आनी, मेकळो वेळ आसा-सो दिसता तेन्ना हांव तांकां तरे तरेचे प्रस्न विचारतां. म्हाका 'ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत'चे वरीं एक नवें पुस्तक बरोवपाचें आसा. आयज भंगी कामाचेर तांणी एक लेख डिक्टेट केलो. तो सोंपले उपरांत हांवें तांकां म्हळें, 'हरशीं, आमचो लोक निवळ. इतलो निवळ की कोणाच्या हातांतलें खावचें आनी कोणाच्या हातांतलें खावचें न्हय असलें लेगीत बारकायेन येवजुपी आनी ताचोच एक Code of conduct तयार करपी. इतलेंय आसून देस मात सामको घाणयारो."[१६३]

## विचारात्मक शैली[१६४]

ज्या निबंधांत सखोल विचार जाता त्या निबंधाक विचारात्मक म्हणूं येता. चड करून समाजीक अडचणीचेर विचार जाता अशे तरेच्या निबंधांक विचारात्मक म्हणटात. रवीन्द्रबाबाच्या "ओथांबे" संग्रहांतलें हें अवतरण.. "बिझनेस सुरु केलो म्हणटकूच कांय दिसांनी लक्षांत येता. सुखाक फाट केले बगर, तान भूक विसरुन पुराय वेळ बिझनेसाक दिलेबगर बिझनेस चलना. म्हळ्यार, सुख जोडपा खातीर जो दुडू जाय तो जोडपाखातीर सगळ्यांत पयलीं सुखाचेर उदक सोडचें पडटा. करतां करतां एकदीस दुडू जोडपांतूच मनशाक एके तरेचें सूख मेळपाक लागता. सुखा विशींचे ताचे कल्पनेंतूच बदल घडून येतात.' जाय तेन्ना जाय तें करूंक मेळचें ... जाय तें घेंवंक मेळचें' ही ताची सुखा विशीं पयलीं कल्पना आशिल्ली. आतां 'दुडू जोडप ... खूब जोडप' ही नवी कल्पना ताचेर आपणालो शेक चलोवंक लागता. आयजवेर हांवें खंयचोच श्रीमंत सुखी पळोवंक ना. कित्याक? तो पयलीं दुडवांचो धनी जावंक सोदतालो. करतां करतां

एकदीस दुडूच ताचो धनी जावन बसलो म्हूण मू? जावंक जाय."[१६५] अशे तरेन मनीस दुडवांचो धनी जाता, पूण सुख मात ताच्या पदराक आसना ह्या गजालीचेर लेखक लक्ष केद्रींत करता.

## सुत्रात्मक शैली

ह्या तरेच्या शैलींत लेखक एका सुत्रान खोल विचार सांगता. सुत्रात्मकात चड करून एक वाक्य आसता. देखीक - जो खोना है। वही पाना है।[१६६] देखीक - मोग फातरिचेंय लोणी करता, जिचे लागीं तूं लग्न जावपाक अनमनतलो तिच्या मोगांत पडप समा न्हय, येसाकूच जंय सास्वती ना थंय अपेसाक खंयची, जण एकल्याचें दुख्ख ताच्या काळजा येदें, सर्ग खंय? काळीज दसता थंय, दिमयांनी जियेवचे परस उब्यांनी मेल्लें बरें, ताकतीक केल्यार कळाव जाता, पेरां जायनाशिल्ले पेरीक भुरगीं लेगीत फातरायनात, नीट वाटेन चलपी वाट केन्नाच चुकना, शान्त समुद्रांतूय ल्हारां उठ्ठात[१६७]

## भावात्मक शैली

सोद वावराक घेतिल्ल्या समाजीक निबंधांनी लेखकांच्या साहित्यांत भावात्मकता नदरेक येता. समाजा विशीं विशिश्ट भाव आशिल्ल्यान लेखक साहित्याची निर्मणी करपाक पावता. डॉ मु. ब. शाह प्रमाण भावात्मकता जाणून घेवंया. ह्या तरेच्या शैलींत उत्तेजना, चंचलता, प्रवाहपूर्णता वा विक्षेप मेळटा.[१६८] रवीन्द्रबाबाच्या "सांगाती" ह्या निबंध संग्रहांतली ही देख. "घोव-बायलेक एकमेकां कडल्यान इतलेंच जाय आसता. इल्लोसो मोग, इल्लोसो आदर, इल्लीशी तुस्त."[१६९] ह्या बरपांतल्या लेखक घोव-बायलेच्या नात्याची भावूकता नदरेक हाडपाचो यत्न करतात. "हांव नातीं मानिना हें खरें न्हय. हांव इतलेंच म्हणपी : आमचो मोग आवय-बापूय, भाव-भयणी वा हेर धा-वीस वा चाळीस-पन्नास सोय-यांचे शिमेंत बंदिस्त उरूंक जायना. रगताचें नातें जरूय दाट आसलें तरूय एकआंगी तें. दुसरी एक गजाल लक्षांत दवरूंक जाय - रगताचीं सगळीं नातीं मोगाचीं आसतात हें खरें न्हय. आनी रगताच्या नात्यां भायर दाट नातें दुसरें खंयचेंच नासता हेंय खरें न्हय. घोव-बायलेचें नातें हें रगताचें नातें न्हय. पुणून रगताच्या नात्या परस दाट्ट काय न्हय? रगताच्या नात्या भायर आनी घोव-बायलेच्या नात्या भायर आनीक एक नातें आसता. ते इश्ट-इश्टां मजगतचें. हें नातें सगळ्यांत चड दाट आनी सगल्यांत चड सुंदर. ह्या नात्यांत कांय 'सोयरे'

आसतीत. पुणून चडशे 'लोकूच' आसतात. हांव लेखतां तीं हीं नातीं...."[१७०] ह्या बरपांतल्यान लेखकान भावूक जावन इश्ट, घोव आनी बायलेच्या नात्यांतली भावना दाखोवपाचो यत्न केला.

## आत्मपरक शैली

ह्या तरेच्या शैलींत व्यक्ति-व्यंजक, वैयक्तिकताय आसता. आत्मपरक भावनात्मक शब्दांचो प्रयोग जाता. गोमटें गोंय ह्या निबंधांत मुकेशबाबान जी खंत उकतायल्या 'दुख्खां, प्रस्न, समस्या आनी व्यथा हातूंत हुलपतकच गोमट्या गोंयांतलो हांव गोंयकार हड्डें फोडून रडटां, होळोम काडून रडटां ..... तांकां समजना, ते म्हणटात हांव गोड गोड गोमट्या गळ्यान गायतां."[१७१] हातूंत तांची आत्मपरकताय दिसून येता.

## संवादात्मक शैली

ह्या शैलींत संवाद चड नदरेक येतात. मुकेशबाबाच्या "वळेसर" ह्या निबंधांत संवाद मुखेल आसात. कथेची कथा ह्या निबंधांत कथे बद्दल मुकेशबाबान आपल्या इश्टावांगडा भासाभास केल्याचें दिसून येता.[१७२] रवीन्द्रबाबाच्या "वेळे वयल्यो घुलो" ह्या निबंधांत घरचीं आनी सत्यवती हांचे मदले संवाद पळोवया. 'सत्यवती कितें जाला गे तुका आयज? आगे, रडटाशी कित्याक गे? भुरग्यांचो उगडास, येयलो. बावडी घरा कडेन उपाशीं आसतलीं'[१७३]

## व्यासशैली

हे शैलींत विवेचन विस्तारान पारखणी करता. सरळ शब्दांनी प्रयोग करता.[१७४] हातूंत अशे तरेन अर्थ दितात की लेखक वाचप्याक खंयच्याय विशयाचेर पुराय म्हायती दिता. एकूच गजालीक घुंवडांवन घुंवडांवन लेखक तीच गजाल परत परत सांगता देखून तातूंत विस्तार येता.[१७५] दत्ताबाबाले कांय निबंध आसात. जनेलांचें जग- ह्या पुराय निबंधांत लेखक वेगवेगळ्यो देखी दितात. "हालीं हालीं लोक दारांबराबर जनेलांय बंद करूंक लागल्यात. वारो, वावझड, विजो, गडगड, वत, कुडकुडो, चोर, फटींग, बेबदे, मवाली जनेलांक याद काडल्यार थरथरो भरता."[१७६] पूण ह्या पुराय निबंधांत लेखक जनेला विशीं सांगतात. फूडें

दत्ताबाबाले अशे निबंध आसात देखीक - साकरन्हीद - न्हीदे बद्दल, रोजां- फुला बद्दल, दनपारां - बद्दल, दुखां - दुखां बद्दल, चावी- चावये बद्दल, सावळ्यो - सावळयां बद्द्ल आनी चिचें बोटां- बोटां बद्दल.

## समास शैली

ह्या तरेच्या शैलींत संस्कृतनिश्ठ शब्दांचो प्रयोग जाता.[१७७] ज्या निबंधाची भाशा सामासिक वा तत्सम शब्दांनी भारिल्ली आसता, संयुक्त वा लांब लांब वाक्यां अलंकार आसतात ताका समास शैली म्हणटात. देखीक प्रकृती वा ऋतुंचें वर्णन करताना ह्या शैलीचो चड करून प्रयोग जाता. पूण आधुनिक निबंधकार ह्या शैलीचो तितलो प्रयोग करनात.[१७८] अशे तरेचे शैलीचो अर्थ समजपाक वेळ लागता मस्तिश्काचेर सामकें वजें पडटा. परत परत वाचून लेगीत समजना. पूण मनाचेर प्रभाव पडटा. हातूंत क्लिश्ट-आनी संश्लिश्ट वाक्यां दिसून येतात."[१७९] म्हाका आयची भाकरी दी अशी वो अशा अर्थीची प्रार्थना सगल्या भासांमदीं सगल्या धर्म- संस्कृतायांमदीं आसा. पुणून 'सह नौ भुनक्त' हे प्रार्थनेतलें भावसौंदर्य अप्रूप तें अप्रूपच.", "ग्रीव म्हळ्यार मान. सुग्रीवा म्हळ्यार सुंदर मान आशिल्ली बायल मनीस आनी सुग्रीव म्हळ्यार सुंदर मान आशिल्लो दादलो मनीस", "भारतवर्षाक द्रौपदी कृष्णाच्या नात्यापरस राधा कृष्णाचें नातें चड आवडलें हें ह्या देशाचे दुर्दैव. राधाकृष्णाच्या रासलीलांचें रसभरीत कीर्तन करतना द्रौपदी-कृष्णाच्या अजरंवर प्रेमाची गाथा हो देश विसरलो"[१८०] रवीन्द्रबाबाच्या ओथांबे निबंध संग्रहांतले हें सुभाशीत. "प्राप्य चलान अधिकारान/ शत्रुषु मित्रेषु बंधुवर्गेषु/ नाऽपकृतम् नोपकृतम् न सत्कृतम्/ किम् कृतम् तेन"[१८१] ही देख समास शैलीची आसा.

## प्रवाहात्मक शैली

ह्या तरेच्या शैलींत सादे सरळ शब्द वापरतात. तातूंत उपवाक्यां आनी वाक्यांचो प्रयोग निश्चित लय आनी गतिशीलते बरोबर करतात. जाका लागून भाशेंत प्रभाव क्षमता वाडटा.[१८२] अशाच सुंदर प्रवाहाची देख रवीन्द्रबाबाच्या सांगाती चिंतनात्मक निबंधांत पळोवपाक मेळटा. देखीक-"म्हजे हावेस तीनः म्हजे हस्तुकीं जी करणी घडटा ती सदांच बरी आसची हो एक. तोंडांतल्यान जें उतर भायर सरता तें सदांच खरें आसचें हो दुसरो. आनी म्हज्या दोळ्यांक सदां सुंदर तेंच दिश्टी पडचे हो तिसरो."[१८३]

## विवेचन शैली

ह्या निबंधांत चड करून तार्किकता, दार्शनिकता, खंडन मंडन, वाद विवाद अशे तरेचीं खाशेलपणां आसतात. ह्या निबंधांत विचाराक समकें चोनून चोनून भरतात. एक विचार दूस-या विचाराक पोशण दिता. तेच तरेन कठीन शब्दाचो प्रयोग हातूंत जाता. पूण विचारांत एक तरेची गंभीरताय दिसून येता.[१८४] तेच तरेन सामान्य विचारांचें प्रतिपादन करपाक ह्या शैलीचो प्रयोग जाता.[१८५]

अशे तरेच्या शैलींत चड करून सैद्धांतीक, संस्कृती, परम्परा, दर्शन, समाज शास्त्र, नीतिशास्त्र, काव्यशास्त्र अशे तरेचे गंभीर विशय हातूंत हाताळटात. जे तरेचे विशय चर्चेत आसतात तेच तरेचे विशय लेखनांत येतात. तेन्ना ताका विवेचनात्मक शैली म्हणटात.[१८६] देखीक भांगीबाबाच्या, उतरांचो संवसार ह्या निबंध संग्रहांतलें हें अवतरण. "तीन चार दिसांपयलीं मडगांवां विद्यानिकेतनाच्या वज्र महोत्सवाचो दबाजो मोठ्या आट्यापाट्यान जालो. त्या खातीर ताणीं एक सामाजिक परिशद भरयली आनी संस्कृतीक कार्यावळ जाय म्हणून एक मराठी कवी संमेलन घडोवन हाडलें. परिशदांनी खंयचेंच काम फूडें गेल्लें हांवें पळोवंक ना. तरी परिशदेसंबंदान म्हजें कसलेंच म्हणणें ना. म्हजो शीण आसा तो कवी संमेलन घडोवन हाडिल्ल्या जाळवणदारांचेर आनी तातूंत वांटो घेतिल्ल्या आमच्या गोंयच्या कवींचेर. भौ. कवी वसंत बापट आनी मंगेश पडगांवकार हांकां ताणीं मुजरत आपोवन हाडचें आनी तांकां आपल्या म्ह-यांतलो सामको लागशिल्लो, तांच्या परसय व्हड तोलाचो कवी शंकर रामाणी दिसचो न्हय हाचें अजाप जाता."[१८७]

## व्यंग शैली

हे तरेच्या शैलींत एक तरेची तिखटसाण आसता. ह्या शैलींत दूस-या मनशांक सामको ध्वस्त करपाची अशे तरेची भावना दिसून येता.[१८८] अशे तरेच्या निबंधांत व्यंग आसता पूण त्या व्यंगा बरोबर सामको खोल विचार लिपिल्लो आसता. तातूंत जो अर्थ दिसता तो केन्नाच आसना. ताचेर विचार केल्यार कळून येता. कांय लोक हांसोवन हांसोवन ल्हवूच चिमटो काडटात. हातूंत बुद्धि आनी मनाचो बरो प्रयोग जाता.[१८९] हांतूंतलीं वाक्यां ल्हान आसपाक जाय. लेखकाच्या मनांत जे विचार आसात ते वाचप्याच्या मनांत पावपाक जाय. हातूंतले भाशेंत लेखक आपलो चमत्कार दाखयता. लेखक अशे तरेन आपली भाशा निबंधांनी वापरतात की ती वाचप्याक मर्मस्पर्शी आसता.[१९०] पांडुरंग भांगींच्या उतरांचो संवसार ह्या

निबंधातले  अवतरण “आमचे स्वतंत्रतायेक आयच्यान ३७ वर्सां जालीं. ह्या ३७ वर्सांत आमकां जोडून दिल्ले स्वतंत्रतायेचो आमी चोंथो केलो. स्वतंत्रतायेचें शेण केलें.

ह्या ३७ वर्सांत राष्ट्र व्हड जालें ना. ह्या ३७ वर्सांत जगप कठीण जालें. स्वार्थाक ओतो आयलो. भ्रश्टाचार मातला. चारित्र्याक पड आयली”[१९१]

## आवेग शैली

अन्याय पळेतकच कोणाकूय सामको राग येता. मनशाचें मन स्थिर आसना. लेखक राग आनी आक्रोशाच्या स्थितिंत वा परिस्थिंतल्यान वतात. आनी सगळें सोसून त्याच स्थितींत बरयतात ताका आवेग शैली म्हणटात.[१९२] देशाच्या परिस्थिती संबंदान लेखक डॉ. लोहियांकडेन उलयता. तेदेवळार डॉ. लोहियां म्हणटात, 'अवचीत ते गंभीर जाले. आनी दांत ओंठ चाबून म्हणूंक लागले, देशाचें सत्व ना करून उडयलें आमच्या फुडा-यांनी. तांकां सगळ्यांक उजो लावंक जाय आनी त्या उज्यांत (देस असो जाला म्हणपाची खबर आसून लेगीत कांय करूंक पावूंक नाशिल्ल्या) म्हजे सारकेल्यांचोय लासून गोबोर जांवक जाय.'[१९३]

## धारा शैली

हातूंत गद्य-काव्य दिश्टी पडटा.[१९४] धारा शब्दा वेल्यान स्पश्ट जाता अशे तरेचो प्रवाह जो केन्नाच बंद जावचो ना. जातूंत 'सम' चो भाव सगळेकडेन परिलक्षित आसा. अशे तरेन जेन्ना निबंधकार आपले विचार व्यक्त करतात तेन्ना तातूंत निश्चित गती येता. जो भाव फाटल्यान व्यक्त केला ताचो निर्वाह परत परत निर्बंध गतिंतल्यान जाता तेन्नाच ताका धारा शैली म्हणूं येता.[१९५] रवीन्द्रबाबाच्या सांगाती निबंध संग्रहांतली ही देख. "केन्ना केन्ना दिसताः ही काळखी रात केन्नाच सोंपपाची ना. आनी धीर सुट्टा. निर्शेणेच्या ह्या खिणांतूच जिस्त फांतोड सुरू जाल्ली आसता."[१९६] अशे थोडेशें काव्यात्म रूप धारण केल्ले चिंतनात्मक निबंध पळोवपाक मेळटात.

## तरंग शैली

ह्या शैलींत लेखकाचें मन चड भावूक आनी गतिशील आसता. पूण तें ल्हारा प्रमाणें तरंगता आनी गति प्राप्त करता.[१९७] ह्या तरेच्या निबंधांत जण एक विचार आपलें प्रभुत्व दुस-याचेर गाजोवपाक सोदता. देखून हे विचार आपटून उसळटात. त्या विचारांनी मागीर सुकती भरती येता. केन्ना केन्ना विचार सामके वयर चडटात आनी केन्ना तर वाक्यां अर्दी उरतात वा क्रिया  विहीन उरतात. अशे तरेच्या निबंधांत सरळ आनी ल्हान वाक्यां आसतात. ह्या शैलीक आवेग शैली लेगीत म्हणटात. पूण एक मात ह्या शैलींत विचारांचो वेग आसता.[१९८] देखीक "पंदरा वर्सांनी दोगांय एकामेकां पसून इतलीं अलिप्त कशीं जालीं, हो प्रस्न हांवें ताका विचारलो, 'पोरणे उगडास उचांबळून आयले नात?" 'आयले' ताणें जाप दिली. 'पुणून खीणभररूच... कित्याक, ती ती उरूंक नाशिल्ली. तिची आवय कशी दिसताली.' हांवें म्हळें, ' तिकाय घडये तूं तुजो बापूय कसो दिसला जातलो. 'मागीर म्हजे तकलेंतलें चाक सुरू जालें. म्हळें, ' धरूंया, तो तोच उरिल्लो, तसोच दिशिल्लो. तशी तिवूय तीच उरिल्ली, तशीच दिशिल्ली. जाल्यार, सांगूं नज, घडये दोगांयचे पोरणे उगडास उचांबळीत जावन वयर सरूं येताले. पुणून आयज पंदरा वर्सां उपरांत तो तो उरूंक नाशिल्लो. बदलिल्लो. तिवूय ती उरूंक नाशिल्ली. बदल्लेली. 'काळा' चीच किमया म्हणची पडली ही[१९९]."

## प्रश्नमूलक शैली

हे शैलींत लेखक खंयच्याय विशयाचें विवेचन करतना वाचप्यांच्या मनांत जे तरेचे प्रस्न निर्माण करतात ताका प्रश्नमूलक शैली म्हणूं येता.[२००] कोळ्याक कितली नांवां हें सांगतना आनी तांणी विणिल्ल्या जाळ्याची अपुरबाय कारतना केन्नाच रवीन्द्रबाब हावेस भागोवपाखातीर जाळ्यांत पडिल्ल्या वरी जाणवता. ते म्हणटात 'ह्या जाळ्यांत म्हाका घुसपावन घेवन हांव सामको अ-चेतन जावन पडटां म्हणपाचें म्हाका कितलें-शें कळ्ळां? ह्या जाळ्यांतल्यान हांवें कशें सुटप, कसो मेकळो जावप?'[२०१]

## विक्षेप शैली

विक्षेप म्हणल्यार पसरिल्लो वा स्थिर आसप ना, मन हांगा थंय जावप. जेन्ना लेखकाचे विचार योग्या क्रमान वा तर्क पूर्ण आसनात तेन्ना ते हांगा थंय धांवतात आनी उडपाक लागतात तेन्ना ताका विक्षेप शैली म्हणटात.[२०२] भांगीबाबाल्या 'उतरांचो संवसार' ह्या निबंध संग्रहांतली ही देख- "कालच्यान मनीस चंद्राचेर पावलो. अवकाश इल्लो इल्लो करून तो जिखतलो म्हणपाची ही पयली नाट. जाल्यार भुरगेपणांत शिकता आसतना वाचिल्ल्या एका धड्याची ओगीच याद जाता. एक भोंवडेकार आशिल्लो. सवणीं मारपाचो ताका मोठो नाद. दिसूयभर आपलें तुबक घेवन सवणीं मारपाक ताणें विडविडचें. सवण्यांक तेळपाखातीर सदांच नदर वरशी करून ताणें भोंवचें. एक दीस रानांतल्यान भोंवता आसतना वाटेर सोरोप आशिल्लो तो ताका दिसलोच ना. सोर्पार पांय पडनाफुडें सोरोप ताका चाबलो आनी वीख चडून तो भोंवडेकार मेलो. अशीच कांयशी अवतिकाय आमची जावंची ना मूं? अवकाशाचो आमी सोद घेतात, भुगर्भांत कितें चल्लां म्हणपाची सुनशा आमी कितलीशी घेतात?"[२०३]

## प्रलाप शैली

ह्या तरेच्या शैलींत विचार हांगा थंय वतात आनी मस्तिश्का वेलें नियंत्रण वाता आनी तातूंत फक्त भाव व्यंजना उरता. मागीर भावूकतेचें रडगाणें उरता. ताका प्रलाप शैली म्हणटात. हातूंत वाक्यां अव्यवस्थित आसतात. भाशा कशाय कशी आसता. ह्या तरेच्या शैलींत कांय कडेन तिखसाण, आत्मसमर्पण, संवेदना वा तीव्रता आसता. हे तरेची शैली वाचतकच लेखकाचीं पिशेपणां दिसून येतात. केन्ना कित्याचें कितें दिसून येता.[२०४] कारण नासतना रडप आनी कारण नासतना हांसप असले स्थितींत जीं वाक्यां येतात तांकां प्रलाप शैली म्हणूं येता.[२०५] ह्या शैलीक योग्य लागपा सारकी देख  मुकेशबाबालो "कळपुटी" हो निबंध. ह्या निबंधांत ल्हान ल्हान निबंध आसात. ते शिंपडून आशिल्ल्यान वाचप्याक पुराय निबंधांतलो ताल बसना. लेखकाची तिव्रताय कशे तरेन दिसता ती पळोवया." आज फोंड्यां सतीश दिशिल्लो. नदरेक नदर लागून लेगीत ताणें आज तिसरे खेपे म्हाका हडकिलोना. येदोसो चिर्डट आसतना हाका आंगाखांदार खेळयलो. हिसपाभायर अपुर्बाय केली, म्हूण हो बेमान बी जावंक ना मू? खीणभर चिंतलें, ड्रग्सांचें सेवन बी लागूंक ना मूं हाका? कॉलेजींतल्या पोरांचेर अच्छेव आयला हालीं.

घरा येतकच 'अधिक चौकशीअंती' समजलें, सतीशाक हालीं कवितांचें वेसन लागलां!" ह्या अवतरणांत सतीशान हडकूंक ना म्हण ताका जे तरेचें विशेशण लायता ताचे वेल्यान लेखकाची तीव्रताय जाणवता. "प्रचंड आग्रो करून संजयान आज म्हाका जेवपाक आपयिल्लो. आंवाळो दिवन कुंवाळो गिळपाचो आसता तेन्ना तो म्हाका अशीच ग्राश मारता." तशाच तरेची "बॉसान आज मेमो दिला. एक बॉक्स - फायल भरली, इतलो मेमो जाल्यार म्हजे सदां उठून पडपी ह्या कागदांक आतां मोल उरलां? दळडि-यान चारचौगांमुखार सुज्यार केलो, ताचें मात वायट दिसलें", हांगा दळडि-या सारको शब्द बॉसाक वापरला. तशीच भावूकताय "आई हांतुणार आसा. जेवणाच्या डब्याक लागून त्रास जातात. देखून लग्नाबगर गत्यंतर ना. जेवणाच्या डब्याखातीर लग्न जावपी दिनाची म्हाका काकूट दिसली आनी दोळ्यांत दुकां दाटलीं."[२०६] हातूंत प्रलाप शैली पळोवपाक मेळटा

## प्रसाद शैली

प्रसाद शैलींत लेखकान पुरायपणान खंयच्याय दृश्य, घटना, चरीत्र वा प्रसंगाचेर पुराय वर्णन दिल्लें दिसून येता. कांयच दाखय लिपय नासतना अत्यंत सादेपणान देखी दिवन लेखक निबंध लेखन करतात.[२०७] कांय समीक्षक प्रसाद शैलीक व्यास शैली मानतात. डॉ जयनाथ 'नलिन' प्रमाण व्यास शैलींत जो अर्थ व्याप्ति आनी खोलाय दिसना जी प्रसाद शैलींत आसता. प्रसाद शैलींतलीं वाक्यां सरळ, सार्थक शब्द, सरळ विचार आनी सरळ भाव, साधारण मनशाक लेगीत समजूं येता आनी वाचप्यांक लेगीत तितलीच उपयुक्त थारता.[२०८] प्रसाद शैलिची भाशा अभिधात्मक, सुबोध, मधुर आनी स्पश्ट आसूंक जाय. तातूंत सहानुभूति आनी सहृदयतेचे भाव आसूंक जाय. प्रसाद शैली चड करून वर्णन-प्रधान, विवरण-प्रधान, विचारात्मक, सरळ हास्य प्रधान निबंधांत दिसून येता.[२०९] "तिचो घोव भायर पडल्यार वर्स जालां जातलें. तो वचत पसून ती जिविताक साप उबगल्या. वाचता, बरयता, सगळीं कामां करता. पुण बाबडेचें कित्यांतूच लक्ष लागना. तिच्यो सगळ्यो उमेदी जिल्ल्यात.

आयज ती म्हजे कडेन येवन रडपाक लागली. तिची काकुळट करून तिका धीर दिवपा बदला हांवें तिका विचाल्लें: तूं रडटा कोणाक? ताका काय तुका? ती म्हज्या तोंडा कडेन पळेत रावली.

हांवें म्हळें: धर, एके बँकेंत तुवें तुजी सगळी जोड दवल्ली आनी बँक अकस्मात बुडली. जाल्यार, तूं कोणाक रडटली? बँकेक, काय तुजे जोडीक? ती म्हज्या तोंडा कडेन अजापान पळोवपाक लागली. हांवें तिका म्हळें : 'तुवें तुज्या घोवांत तुजें सगळें सुख invest केल्लें. ही तुजी बँक आतां बुडली. कितलेंय कपल आपटी, ती बँक परती जिवी जावपाची ना. मुखा वयलें आयुश्य जियेवपा खातीर तुका आतां नवें भांडवल उबें करचें पडटलें. तुज्याच जिविताचें. सोदशीत जाल्यार तुका तें मेळटलें....रडून तुका कितें मेळटलें[२१०]?"

## ५.४ प्रतीक - अर्थ, परिभाशा, आनी प्रभाव

### प्रतीक

प्रतीक शब्दाचो प्रयोग वैदिक साहित्यांत जाला. हाचो अर्थ लायतना बाल गंगाधर टिळक कशे तरेन लायता ते पळोवंया. प्रतीक (प्रति + इक) चो भावार्थ आसो आसा. प्रति म्हणल्यर आपलेवटेन, इक बागवले. पयलीं खंयच्या वस्तुचो एक भग समजता, फुडें त्या वस्तुचें ज्ञान मेळटा. तेन्ना त्या भागाक प्रतीक म्हणटात.[२११] ह्या नेमा प्रमाण खंयचेंय प्रत्यक्ष चिन्न, अंशरूपी विभूति वा भाव प्रतीक जांवं येता. प्रतीक सादृश्याच्या फूडें भाव जागोवपाचें कार्य करता. मनीस प्रतीक निर्माण करपी प्राणी आसा. तो आपल्या अनूभूतिंच्या अभिव्यक्ति खातीर प्रतीकां सोदीत आसता. प्रतीकांत दोन भाग आसात. परंपरागत प्रतीक आनी वयक्तिक प्रतीक. आचार्य शुक्लान प्रतीक वांगडाच प्रतीकवादाचेर विचार केला. १८८६ वर्सा प्रतीकवादाचेर फ्रांसांत आंदोलन जाल्लें.[२१२] अज्ञेयचे प्रतीक विशीं कितें विचार ते पळोवया - म्हत्व वा मूल्य प्रतीक वा प्रतीकांत नासता. तें तांच्यांत मेळिल्ल्या अनुभूतिच्या गुणात्मकतेंत आसता.[२१३] प्रतीक म्हणल्यार कितें समजून घेवंया. जें आमच्या इंद्रियांक दिसता. तेच तरेन जें मूर्त आसा ताकाच प्रतीक म्हणूं येता. हाच्यो कांय देखी पळोवया ज्यो सोदवावर करतना मेळ्ळ्यात.

दत्ताबाबाल्या "रोजां" ह्या निबंधांत 'नवरात्रां लागीं पावलीं. दस-याची सुलूस लागली. दिवाळी हुम-यार पावली' हातूंतलीं नवरात्रां, दसरो आनी दिवाळी हीं भारतीय सणां परबेंचीं आनी संस्कृतायेचीं प्रतीकां. दत्ताबाबाल्या "रोजां" ह्या निबंधांत 'आंब्यांच्या पानांनी लोकसंस्कृतायेन रोजांच्या फुलांक गुंथल्यांत. तांची

माळ आपल्या गळ्यांत घाल्या. तांचें तोरण आपल्या घराच्या दारार लायलां. ताचे हार हांड्यांच्या आनी कळसुल्यांच्या गळ्यांत बांदल्यांत.' हातूंतलीं आंब्याच्या पानांनी, रोजांच्या फुलांक, तोरण, हांडो आनी कळसुली हीं हिन्दू लोकसंस्कृतिचीं प्रतीकां.' पयसुल्ल्या इगर्जेच्यो घांटी वाजतल्यो. ' घांट ही इगर्जेचें प्रतीक. 'फुलांचो खुरीस' ह्या निबंधांत 'मागीर तो खुरीस फुलांचो खुरीस जालो. 'फुलांचें न्हाण आसा तशें फातरांचेंय न्हाण आसता.[२१४] हांगा फूल ब-याचें प्रतीक जाल्यार फातर हो वायटाचें प्रतीक आसा. हीं सैमीक प्रतिकां. खुरीस हो क्रिस्ती धर्माचें प्रतीक. झाडांपेडां, सुकणीं, जळारां, मूस, जीव, वनस्पत आनी मोनजात.[२१५]

## ५.५ बिम्ब - अर्थ, परिभाशा, आनी प्रभाव

बिम्ब नगेन्द्रच्या मता प्रमाण बिम्ब कला सर्जनाचें नाव आसा हे खातीर तें महत्वपूर्ण आसा.[२१६] इंग्लीश भाशेच्या 'इमेज' शब्दाचें रूपांतरण हिन्दी भाशेंत 'बिम्ब' केलां. लेविस बिम्बाक शब्द निर्मणेचें चित्र मानतात. बिम्ब शब्दाची परिभाशा पळोवया.

- ऐंद्रीयाच्या माध्यमांतल्यान आध्यात्मिक वा बौद्धिक सत्याकडेन पावोवपाचो मार्ग.

- बिम्ब खंयच्याय अमूर्त विचार वा भावनांची पुनरनिर्मिती आसा.

-परिभाशा पळयल्या उपरांत बिम्बाचो थोडोसो इतिहास जाणून घेवंया. १९०८ वर्सा हूल्मे आनी फ़्लिंट हांणी बिम्बवादाचेर घोषणा पत्र प्रकाशित केल्लें. आचार्य रामचन्द्र शुक्लान फ़्लिंट हांकां बिम्बाचो प्रवर्तक मानला. फूडें १९१२ ते १९१७ वर्सा लंडन आनी अमेरिका ह्या देशांनी बिम्बवादाचेर आंदोलन जालें. ह्या आंदोलनांन ड्रूलिट्ल, डी. एच. लॉरेन्स, लोवेर, कैरोल विलियम्स आनी रिचार्ड एलिंग्टन हांणी वांटो घेतलो. आचार्य रामचन्द्र शुक्लान हिन्दी समीक्षेंत ह्या शब्दाचो पयलो प्रयोग आपल्या 'भाव या मनोविकार' ह्या निबंधांत केलो. आचार्य रामचन्द्र शुक्ला प्रमाण बिम्ब योजना विभावाच्या अंतरगत आसता. चित्रण हो ताचो मुख्य धर्म आसता. बिम्ब व्यक्ति वा विशेशतायेचें आसता, सामान्य वा जातिचें नासता.[२१७]

पाश्चात्य आलोचकांनी जायत्या दृश्टिंतल्यान बिम्बाचें वर्गीकरण केलां. पूण रेनेवेलेक हांणी बिम्बाचें अशे तरेन रूप दाखोवन दिलां. १) स्थिर बिम्ब, २) गतिशील बिम्ब, ३) बांधिल्लें बिम्ब, ४) मुक्त बिम्ब.

ह्या भायर मिश्र बिम्बाचे संकेत तांणी सांगल्यात.[२१८] आधुनीक हिन्दी समिक्षकांमदले केदारनाथ सिंह हांची परिभाशा आशी आसा.- बिम्ब अशें शब्द चित्र आसा, जें कल्पनांच्या माध्यमांतल्यान इंद्रिय अणभवाचो आदार निर्माण करता.[२१९] पाश्चात्या विचारां अंतर्गत सी. डे. लिविस ची परिभाशा - बिम्ब एक शब्द चित्र आसा.

एजरा पाउण्ड प्रमाण बिम्ब अशे तरेची कला आसा जी तात्कालिकतेंत बौद्धिक आनी भावात्मक अभिव्यक्ति करता. पाउण्डान बिम्बाक वोरटेक्स म्हटलां.[२२०] हिन्दी साहित्य कोशांत बिम्बा विशीं अशी परिभाशा दिल्या. मनशाच्या जिणेंत बिम्ब विधान वा कल्पना विधानाचें चडांत चड म्हत्व आसा. प्रस्तुत परिवेशांत संवेदना आनी प्रत्यक्षाच्या अतिरिक्त ताच्या मानसांत भूतकाळांतली वा अस्तित्व दवरिनाशिल्ली वा करीनाशिल्ली वस्तू वा घटनांच्यो असंख्य प्रतिमा आसतात. बिम्ब शब्द मानस प्रतिमांचो पर्याय आसा.[२२१] बिम्बाक मानस चित्र, प्रतिमूर्ति, काल्पनिक चित्र, प्रतिकृती, बिम्ब, प्रतिछाया, प्रतिबिंब ह्या शब्दांनी प्रकट करूं येता.[२२२] बिम्ब भावात्मक आसतात. बिम्बाचें मूळ व्यक्तिगत चेतना आसा. कवि आपल्या व्यक्तिगत अनुभूतिंच्या सर्जक कल्पनेंतल्यान बिम्ब प्रगट करता.[२२३] बिम्बा विशीं अज्ञेयचे कितें विचार आसात तें पळोवया. "प्राथमिक अनुभव के आधार पर बिंब बनता है। और क्योंकि वह प्राथमिक अनुभव के आधार पर ही चलता है।"[२२४] आतां बिंम्ब म्हणल्यार कितें तें सादे भाशेंत जाणून घेवंया. जें आमच्या इंद्रियांक दिसना तेचतरेन जें अमूर्त आसता ताका बिंब म्हणूं येता. ती गजाल आशिल्ल्याचो आभास जाता ताका बिंब म्हणूं येता. कांय देखी सोदवावर करतना मेळ्ळयात त्यो पळोवया. दत्ताबाबाल्या "दनपार" ह्या निबंधांत 'पारजती फांतोड, तिजे फाटोफाट सुस्नात सकाळ, गाबीण मध्यान मागीर तृप्त समाधानी वात्सल दनपार, सुरंगी सानवेळ. तिजे फाटल्यान गोरज पावलांनी गांधर्वी तीनसांज, शांत, सुशांत रात. मागीर विरक्त अनासक्त मध्यानरात.' "दनपार" ह्या निबंधांत 'दनपार तशी अनवाणी पांयांनी येता. शेवण्यांचे मंजूळ घुंगरू बांदून येवपी फांतोडेभशेन ती पांयांक कसले घुंगरू बांदना. दनपार तशी मख्ख मोनी. अबोल,अशब्द!' "रोजां" ह्या निबंधांत 'धुक्याची पामरी पांगरून फांतोड आयली. मोनेळाच्या आंगणांत शेवण्यांनी सुरांची रांगोळी घाली. रूखावळी माथ्यार न्हावन धुवन सुस्नात जाल्यो. झरे, वझरे,

तळयो, तळीं नितळ निवळ जालीं". "सह नौ भुनक्तु" ह्या निबंधांत मरतकच सर्गांत वता ही गजाल खरी काय फट, देव जाणा. गोंयचो सैम हो मात जितेपणांतलो सर्ग! "सह नौ भुनक्तु" ह्या निबंधांत 'सैमान सृश्टी निर्माण केली तेन्ना आर आनी पार नाशिल्लीं पांच आयदनां हाडून रान्नीर दवरलीं. एकांत धर्तरी रांदली. दुस-यांत उदक तापयलें. तिस-यांत वा-याक खतखतो काडलो. चवथ्यांत उजवाड शिजयलो आनी पांचव्यांत अंतररिक्षाची गरगरीत पुरी तळून काडली'. "ख्रिस्तजल्माचो सुवाळो" ह्या निबंधांत 'उजवाड आतां वस्त्रगाळ जातलो. उजवाडाच्यो आतां दिवल्यो जातल्यो. काळखाच्या गळ्यांतल्यान नातलां आतां उजवाडाचे सूर आळयतलीं[२२५]' 'दूदसागराच्या धव्या फुल्ल दुदांतल्यान प्रगट जाल्ली गोमती तूं', 'सवण्यांनी तुज्या देगेर बसून आपल्या गोड आनी नकसूद ताळ्यान सोबीत बरीं म्होंवाळ गीतां गावन तुका येवकार दिला जातलो[२२६]'.

मुकेशबाबाल्या "जिवीत आमचें सोबीत" ह्या निबंधांत दर्यादेगेर घसघसपी ल्हारांचो फेंस आमच्या मनाक चंवर हाडटा. तळ्यांतली शांत नीळसाण झेलावरी शांत कशें रावचें, ताची देख दिता.[२२७] 'म्हासमूद्राच्या म्हादेगेर युगपुरूश ध्यानस्थ बसला आनी ताज्या अन्तरांत स्फुरिल्ली युगवाणी आजुनय तुमच्या कानार पावूंक ना?[२२८] 'दीस पडपाक अजून कळाव आशिल्लो. इतल्यांत मुखावेले रुखावळीर नारंगी उजवाडाचो शिंवर पातळ्ळो आनी जशीं कितें धर्तरेंची ल्हंवेन ल्हंव फुलून आयिल्ले वरी दिसली.[२२९] रवीन्द्रबाबाच्या सांगाती निबंध संग्रहांत अशे तरेचें मुक्त बिंब पळोवपाक मेळटा "अंतस्कर्णांत आनंदाची ओलसाण आसूंक जाय. तरूच भोंवतणच्या सैमांत धाय दिको भरून जो आनंद व्हांवता तो आमकां भोगूंक वा अणभवूंक मेळटलो. सुक्या सड्या सारक्या रखरखीत अंतस्कर्णांतल्यान आनंदाचीं कुपां उबलीं जाल्यारूय झडपाचीं नात."[२३०]

## निश्कर्श

भाशा अशे तरेच्या शब्दांचो समूह जो एका विशेश क्रमान व्यवस्थित जावन आमच्या मनाचे विचार दुस-या मेरेन पावयता वा तातूंल्यान तांकां प्रभावीत, समर्थ करता. भाशा मनशांची संपत्ती आसा. मनशाचो भाशेकडेन संबंध पुरातन काळा पासून आसा. जेन्ना मनशान ह्या धर्तरेचेर जल्म घेतलो आनी मनीस जसो जसो सभ्यताय घेवन चलपाक लागलो तशी ताची भाशा समृद्ध आनी सुसंस्कृत जायत रावली. भाशा हें अभिव्यक्तीचें एक साधन आसा. भाशेबगर भाव आनी विचार अभिव्यक्ती असम्भव थारता. साहित्यकाराच्या मनांतले विचार व्यक्त करपाक भाशा उपयोगी थारता. रवीन्द्रबाबाचे निबंध तर ल्हान ल्हान वाक्यांनी जायते विचार वाचप्यां मुखार पावयतात. पांडुरंगबाबाच्या उतरांचो संवसार निबंधांत ल्हान ल्हान वाक्यां पळोवपाक मेळटात. दत्ताबाबाच्या निबंधांत लेगीत ल्हान ल्हान वाक्यां पळोवपाक मेळटात. ह्याच ल्हान ल्हान वाक्यांतल्यान ते व्हड विचार निबंधाच्या स्वरूपांत गूंथतात. लेखकांनी जे तरेन निबंध रचल्यात ते समजपाक कठीण लागनात. भाशा सरळ आशिल्ल्यान निबंध समजूपाक सोपें जालां. भाशा सामकी सादी आशिल्ल्यान निबंध वाचपाक तनरी लागता. निबंध रचतना लेखकांनी क्लिश्ट शब्दांचो कमी प्रयोग केला.

भाशा वेगवेगळ्या भाशांच्या संपर्कांत येता आनी मागीर त्या भाशेचेर हेर भाशांचो प्रभाव जाणवता. रवीन्द्र केळेकाराच्या साहित्यांत गुजराती भाशेचो प्रभाव जाणवता. हो प्रभाव सोद वावराक घेतिल्ल्या हेर लेखकांच्या साहित्यांत जाणवना. तेच तरेन पुर्तुगेज राजवट गोंयचेर आशिल्ल्या कारणान पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव कोंकणी भाशेचेर जाणवता. तसो पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव कोंकणी भाशेंत बाकीच्या लेखकांच्या संदर्भांत नदरेक येता. सोद वावराक घेतिल्ल्या निबंधांनी तत्सम आनी तद्भव शब्दांचो प्रयोग जाला. लेखकांक गांवांतल्या समाजाचो अणभव घेवचो पडटा ते खातीर तांच्या लिखाणांत कांय प्रमाणांत गांवांतले शब्द दिसून येतात. गांवांतल्या समाजाचे, थंय रावतल्या लोकांचे भाशेंत वेगळें खाशेलेंपण आसता. हे पासत कांय कोंकणी उतरां सदचे जिणेंत वापरांत नाशिल्ल्यान हीं उतरां अनवळखी जातात. गोंय वाठारांत पुर्तुगेज वसाहत करुन आशिल्ल्या कारणान ह्या भाशेचो कोंकणी भाशेचेर आनी समाजाचेर प्रभाव पडप सहाजीक आसा. लेखकांनी पयलें वयलें जें साहित्य रचलां त्या साहित्यांत पुर्तुगेज उतरांचो आसपाव आशिल्ल्याचें जाणवता. इंग्लीश भाशेचो प्रभाव लेगीत जाणवता. इंग्लीश ही फिरंगी भाशा आसली जाल्यार लेगीत जंय जाय थंय त्या भाशेचो प्रयोग जाता. जंय लेखकाक गरज दिसल्या थंय लेखकान त्या उतरांचो

प्रयोग केला. निबंध साहित्यांत इंग्लीश भाशेचो प्रभाव आसा आनी कोंकणी समाजाचेर लेगीत आसा. मराठी भाशेचो प्रभाव दिसता कित्याक तर कोंकणी आनी मराठी हांचो खूब लार्गी संबंद आसा. कांय कन्नड उतरां कोंकणी भाशेंत भरसल्यांत. कांय लोक पुर्तुगेजां तेंपार स्थलांतरीत जाल्ले तांचें कोंकणी कडेन नातें आसा. गोंयांत उर्दू भाशा उलोवपी मुसलमानी समाज आसा. पूण ह्या समाजाचो प्रभाव कोंकणी समाजाचेर आनी साहित्याचेर चड नदरेक येना. म्हणी आनी ओपारी भाशेचें लालित्य वाडयतात. लेखकांच्या समाजीक निबंधांनी म्हणी आनी ओंपरी नदरेक येतात. निबंध साहित्याक शिल्प सामकें गरजेचें आसता. पुराय निबंध शिल्पाचेर आदारून आसता. शिल्प प्रभावी आसल्यार पुराय निबंध प्रभावी जाता. रवीन्द्रबाबाचे "सांगाती", "ओथांबे (चिंतनां)", "वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां)" ह्या निबंध संग्रहांचेर शिल्पाक धरुन संग्रहाचें मोल पळयलें जाल्यार शिल्पाचे नदरेन हे निबंध संग्रह योग्य आसात. कित्याक तर ह्या संग्रहांत ल्हान ल्हान तत्वां आसात. पुराय निबंध शिल्पाचेर आदारून आसा. शिल्प प्रभावी आसल्यार पुराय निबंध प्रभावी जाता. शैली वयल्यान खंयचो साहित्य प्रकार तें सांगूं येता. अशे तरेन शैली साहित्य प्रकारां पासत काम करता. निबंधकार आपल्या शैलींत निबंधांची रसपूर्ण अभिव्यक्ती करता. पयली खंयच्या वस्तुचो एक भाग समजता, फुडें ज्या वस्तुचें ज्ञान मेळटा. तेन्ना त्या भागाक प्रतीक म्हणटात. ह्या नेमा प्रमाण खंयचेंय प्रत्यक्ष चिन्न, अंशरूपी विभूति वा भाव प्रतीक जांवं येता. प्रतीक सादृश्याच्या फूडें भाव जागोवपाचें कार्य करता. मनीस प्रतीक निर्माण करपी प्राणी आसा. तो आपल्या अनूभूतिंच्या अभिव्यक्ती खातीर प्रतीकां सोदीत आसता, निर्माण करीत आसता. मनशाच्या जिणेंत बिम्ब विधान वा कल्पना विधानाचें चडांत चड म्हत्व आसा. प्रस्तुत परिवेशांत संवेदना आनी प्रत्यक्षाच्या अतिरिक्त ताच्या मानसांत भूतकाळांतली वा अस्तित्व दवरिनाशिल्ली वा करीनाशिल्ली वस्तू वा घटनांची असंख्य प्रतिमा आसतात. बिम्ब भावात्मक आसतात. बिम्बाचें मूळ व्यक्तिगत चेतना आसा.

# संदर्भ सूची आनी टिपो

[1] डॉ. बुडकुले किरण, पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत, राजहंस वितरण, पणजी, १९९५, पान ४१ – ४२.
[2] तत्रैव, पान ५७.
[3] तत्रैव, पान ६०.
[4] कुळकर्णी अरविंद वामन, साहित्यविचार, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, दुसरी आवृत्ती - १५ जुलै १९९७, पान १३७.
[5] नेमाडे भालचंद्र, साहित्याची भाशा, साकेत प्रकाशन, औरंगाबाद, पयली आवृत्ती - १९८७, पान १.
[6] च्यारी रुपा, मृदुला गर्ग का कथा साहित्यः आधुनिकता बोध के संदर्भ में, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, २००३, पान २४५.
[7] पांडेय किरण, कृष्णा सोबती के कथा साहित्य में आधुनिकता बोध और नारी, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, २००२, पान १८०.
[8] डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, साहित्यिक निबंध, मीनाक्षी प्रकाशन, मेरठ, नयी दिल्ली, वर्स दिवूंक ना, पान ३३९.
[9] तत्रैव, पान ३४१.
[10] तत्रैव, पान ३४३.

[11] पांडेय किरण, २००२, पान १७८.

[12] तत्रैव, पान १७९.

[13] डॉ. शाह अशोक के, पाश्चात्य काव्य शास्त्र, जवाहर पुस्तकालय मथुरा- उत्तर प्रदेश, प्रथम संस्करण- १९९९, पान ७६.
[14] संपा. वर्मा धीरेन्द्र, हिन्दी साहित्य कोश, भाग १, ज्ञानमण्डल लिमिटेड, वाराणसी, तृतीय संस्करण १९८५, पान ४६३.

[15] संपा. वात्सायन सच्चिदानन्द, सामाजिक यथार्थ और कथा - भाषा, नेशनल पब्लिशिंग हाउस, नयी दिल्ली, १९८६, पान ५०.

[16] डॉ. गुप्त गणपतिचन्द्र, साहित्य - विज्ञान (साहित्य का वैज्ञानिक विवेचन), लोकभारती प्रकाशन, १९९२, पान २४८.

[17] डॉ. नगेन्द्र, समस्या और समाधान, नेशनल पब्लिशिंग हाउस- दरियागंज दिल्ली, १९७१, पान ५३ -५४.

[18] केळेकार रवीन्द्र, ओथांबे (चिंतनां), माणिकपद्म प्रकाशन- बांदोडें, १९९९, पान ४९.

[19] भांगी पांडुरंग, उतरांचो संवसार, गोपाळकृष्ण पाडगांवकार सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००६, पान २४.
[20] नायक दत्ता दामोदर, जाय काय जूय?, बिम्ब प्रकाशन, २००२, पान ३.
[21] केळेकार रवीन्द्र, वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां), जाग प्रकाशन, प्रियोळ, माड्डोळ - गोंय, दुसरी उजवाडावण २००७, पान १६६.
[22] बोरकार सुरेश, थळी मुकेश, घाणेकार दामोदर, कोंकणी - इंग्लीश शब्द कोश, भिडे प्रभाकर, राजहंस वितरण, २००३, पान २१६.

[23] थळी मुकेश, वळेसर, जैत प्रकाशन, २००७, पान २१ – ६०.

[24] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ५–७५.
[25] थळी मुकेश, वळेसर, २००७, पान ६५.

[26] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ११.

[27] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पृ २५.

28 केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १.
29 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ३६.
30 भांगी पांडुरंग, उतरांचो संवसार, २००६, पान ५-१४.
31 नायक दत्तादामोदर, २००२, पान १-२१.
32 केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ७६-१४८.

33 थळी मुकेश, २००७, पान १-६३

34 भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५-५५.

35 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान १-३२.

36 केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ५-११३.

37 केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ५-१०४.

38 भट्ट वी. वेंकटरमण, विद्यानिवास मिश्र के निबंध साहित्य का सांस्कृतिक अनुशीलन, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, १९९९, पान २०३.
39 बोरकार सुरेश, थळी मुकेश, घाणेकार दामोदर, कोंकणी - इंग्लीश शब्द कोश, भिडे प्रभाकर, राजहंस वितरण, २००३, पान २१६.
40 सं. रवीन्द्र केळेकार, जाग, सुमंत केळेकार प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय, ऑगस्ट १९९९, पान १४.
41 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ५३-५७.
42 भांगी पांडुरंग, २००६, पान ८-२०.

43 थळी मुकेश, २००७, पान ९-४५.

44 भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५-५९.

45 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २-२१.

46 केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १०-१७.

47 केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २-१११.
48 केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान २-९९.
49 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८४.
50 तत्रैव, पान ९.
51 केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ३.
52 तत्रैव, पान १.
53 थळी मुकेश, २००७, पान ६३.
54 तत्रैव, पान ५८.
55 तत्रैव, पान ५८
56 तत्रैव, २००७, पान ३१.
57 नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ७३.
58 केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १६.

[59] थळी मुकेश, २००७, पान २.
[60] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ५२.
[61] तत्रैव, पान ६४.
[62] थळी मुकेश, २००७, पान ५३.
[63] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ५.

[64] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २०.

[65] रवीन्द्र केळेकार, १९७७, पान ३०.
[66] थळी मुकेश, पान ६५.

[67] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ३२.

[68] थळी मुकेश, २००७, पान ३०-६३.

[69] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २४-८८

[70] थळी मुकेश, २००७, पान २२.

[71] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २४.

[72] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १०.
[73] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २८.
[74] थळी मुकेश, पान १०-६८.
[75] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १२.
[76] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १२-२६.

[77] केळेकार रवीन्द्र, २००७, प्रस्तावनेचें पान १५.

[78] थळी मुकेश, २००७, पान ८.

[79] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २५

[80] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ९
[81] थळी मुकेश, २००७, पान १५-२२.
[82] तत्रैव, पान २७-६६.
[83] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ४-७३.
[84] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १४-१६५.

[85] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १९-१५७.

[86] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान १२-११५.

[87] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १३७

[88] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ५०.
[89] तत्रैव, पान ८१.
[90] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ४-२७.
[91] थळी मुकेश, २००७, पान १५.

[92] केळेकार रवीन्द्र, पान ११-६५.

[93] थळी मुकेश, २००७, पान ५-५४.

[94] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ८-५१.

[95] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान १-१६.

[96] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १८.

[97] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ४६-९३.
[98] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ४.
[99] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ८६.
[100] तत्रैव, पान २४.
[101] थळी मुकेश, २००७, पान १.
[102] कुछ लोकोक्तियाँ तथा लोकोक्ति परक वाक्यांश भी हमारी बोलचाल की भाषा में घुल - मिल गये हैं इन्हें भी शायद मुहावरा मान सकते हैं।
[103] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २१०.
[104] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान २.
[105] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ५८.
[106] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १२.

[107] थळी मुकेश, २००७, पान ६-६६.

[108] डॉ. कोटमे पी. वी, श्रीलाल शुक्ल के उपन्यासों का शिल्प विधान, चन्द्रलोक प्रकाशन कानपूर, २००४, पान ४०.

[109] तत्रैव, पान ४०.

[110] तत्रैव, पान ४१.

[111] तत्रैव, पान ४२.

[112] च्यारी रुपा, २००३, पान २७४.

[113] पांडेय किरण, २००२, पान २०७.

[114] तत्रैव, पान २०७.

[115] तत्रैव, पान २०७.

[116] च्यारी रुपा, पान २७४.

[117] तत्रैव

[118] डॉ. कोटमे पी. वी, २००४, पान ४४.

[119] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ९३.
[120] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५९.
[121] तत्रैव, पान ५७.
[122] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ६६.
[123] थळी मुकेश, २००७, पान ४८.
[124] तत्रैव, पान ५४.

[125] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १२.

[126] डॉ गुप्त गणपतिचन्द्र, साहित्य - विज्ञान (साहित्य का वैज्ञानिक विवेचन), लोकभारती प्रकाशन, १९९२, पान २०८.

[127] तत्रैव, पान २०९.

[128] वर्मा शामलाल कान्त, अभिनव निबंधावली, चौखंभा विद्याभुवन, वाराणसी, १९६४, पान १९.

[129] केळेकार रवीन्द्र, २००७, प्रस्तावनेचें पान १५.
[130] डॉ. धोंडगे दिलीप, शैलीमीमांसा, सुमती लांडे शब्दालय प्रकाशन, श्रीरामपूर, प्रथम संस्करण, २००१, पान २७.

[131] डॉ. धोंगडे रमेश, शैली वैज्ञानिक समीक्षा, दिलीपराज प्रकाशन प्रा. लि. शिनीवार पेठ पुणे, दुसरें संस्करण - १९९८, पान ९.

[132] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, हिन्दी साहित्य में निबंध और निबंधकार, रचना प्रकाशन, इलाहाबाद, प्रथम संस्करण १९७१, पान २५.

[133] च्यारी रुपा, पान २६३

[134] डॉ गुप्त गणपतिचन्द्र, १९९२, पान २१०.

[135] तत्रैव, पान २११.

[136] डॉ. मिश्र सूर्यप्रकाश, रिति और शैली, अनामिका प्रकाशन, इलाहाबाद, पयली आवृत्ती- १९८८, पान ५१.

[137] पांडेय किरण, २००२, पान १९५.

[138] तत्रैव

[139] च्यारी रुपा, २००३, पान २६३

[140] संपा. डॉ. चौधरी जगन्नाथ, निबन्धकार विद्या निवास मिश्र, अतुल प्रकाशन- कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१, पान २०५.

[141] च्यारी रूपा, २००३, पान २४४

[142] डॉ. धोंगडे रमेश, सौ. अश्विनी धोंगडे, मराठी भाशा आणि शैली, दिलीपराज प्रकाशन, पुणे, प्रथमावृत्ती- १९८५, पान ७.

[143] तत्रैव

[144] संपा. डॉ चौधरी जगन्नाथ, १९९१, पान १११.

[145] संपा. वर्मा धीरेन्द्र, हिन्दी साहित्य कोश, भाग १, ज्ञानमण्डल लिमिटेड, वाराणसी, तृतीय संस्करण १९८५, पान ६८१.

[146] डॉ. देशमुख दिलीप, विद्या निवास मिश्र का निबन्धालोक, विद्या प्रकाशन- कानपुर, २००६, पान २९.

[147] डॉ. मिश्र दुर्गा शंकर, आचार्य रामचंद्र शुक्ल और उनकी कृतियाँ, हिन्दी साहित्य भंडार लखनऊ, १९८३, पान २३.

[148] एन. शिवदास, गोंयांतली कोंकणी साहित्यांतलीं खाशेलपणां आनी प्रदेशीक लक्षणां, संप. नायक भिकू बोमी, कोंकणी दिवाळी, कोंकणी भाशा मंडळ, नित्यानंद नायक, २००५, पान २१.

[149] धोंडगे दिलीप, २००१, पान २५.

[150] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २२३.

[151] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान २७.

[152] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २२३
[153] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २९.
[154] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २२३.
[155] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १३५.
[156] भांगी पांडुरंग, २००६, पान २४.
[157] थळी मुकेश, २००७, पान २६.
[158] डॉ. मिश्र सूर्यप्रकाश, रिति और शैली, अनामिका प्रकाशन, इलाहाबाद, पयली आवृत्ती - १९८८, पान ५५.

[159] डॉ. शाह मु. बा., हिन्दी निबंध का शैलीगत अध्ययन, पुस्तक संस्थान, कानपुर, १९७३, पान ८५.

[160] डॉ. झाल्टे दंगल, उपन्यास समीक्षा के नए प्रतीमान, वाणी प्रकाशन, नई दिल्ली, प्रथम संस्करण १९८७, पान ८३.
[161] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान २९.
[162] डॉ. झाल्टे दंगल, १९८७, पान ८३ – ८४.

[163] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ८९.

[164] डॉ. सक्सेना लालता प्रसाद, 'ललित' निबंधकार आचार्य रामचन्द्र शुक्ल, निर्मल प्रकाशन, जयपुर, १९७३, पान २०२.

[165] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १४७.

[166] पालीवाला अपर्णा, विष्णु प्रभाकर का निबन्ध साहित्य, मंथन पब्लिकेशन्स, दिल्ली, प्रथम संस्करण- १९९३, पान ९८.

[167] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ६-११४.

[168] डॉ गुप्त गणपतिचन्द्र, १९९२, पान २४५.

[169] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ४८.
[170] तत्रैव, पान ५२.
[171] थळी मुकेश, २००७, पान ६८.
[172] तत्रैव

[173] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ३.

[174] डॉ. सिंह सुरेन्द्र, समकालीन आलोचनात्मक निबंध, अभिव्यक्ति प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण- १९९६, पान १९४.
[175] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान ३१.
[176] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान १९.

[177] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २२८.

[178] डॉ शाह. मु. बा, १९७३, पान ९०

[179] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, आधुनिक निबंध साहित्य में मनोवैज्ञानिक उद्‌भावनाएं, ट्रॉंस एशिया पब्लिकेशन, नई - दिल्ली, प्रथम संस्करण, पान ३५.
[180] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ६-३०.
[181] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान १८.
[182] डॉ सिंह सुरेन्द्र, १९९६, पान १९४.
[183] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान २३
[184]डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान ३२ – ३३.
[185] डॉ गुप्त गणपतिचन्द्र, १९९२, पान २४४.
[186] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, आधुनिक निबंध साहित्य में मनोवैज्ञानिक उद्‌भावनाएं, ट्रॉंस एशिया पब्लिकेशन, नई - दिल्ली, प्रथम संस्करण, पान ३५ – ३६.
[187] भांगी पांडुरंग, २००६, पान २१.
[188] डॉ सिंह सुरेन्द्र, १९९६, पान १९६.
[189] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान ३३.
[190] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, पान ३६ – ३७.

[191] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ३९

[192] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, पान ३७ – ३८.

[193] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान २

[194] संपा. डॉ. जगन्नाथ चौधरी, निबन्धकार विद्या निवास मिश्र, अतुल प्रकाशन - कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१, पान २२६.
[195] डॉ गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान ३६.
[196] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ७१.
[197] डॉ. सिंह सुरेन्द्र, १९९६, पान २०४.
[198] डॉ गुप्ता गंगा प्रसाद, , पान ३४.
[199] केळेकार रवीन्द्र, १९९९, पान ३२.
[200] डॉ. सिंह सुरेन्द्र, १९९६, पान २०७.
[201] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान ७.
[202] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पृ ३५.

[203] भांगी पांडुरंग, २००६, पान १५

[204] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, १९७१, पान ३५ - ३६

[205] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, पान ३८.

[206] थळी मुकेश, २००७, पान ३८-३९.

[207] डॉ. प्रेमसिंह श्रीमती, , पान ३४.
[208] डॉ शाह. मु. बा, , पान ९०.
[209] डॉ. गुप्ता गंगा प्रसाद, ि १९७१, पान ३१.

[210] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ७.

[211] सिंह बच्चन, १९८३, पान ६१.
[212] तत्रैव, पान ६२.

[213] च्यारी रुपा, २००३, पान २४८.

[214] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान ३-४७.
[215] थळी मुकेश, २००७, पान १२
[216] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २१६ – २१७.
[217] सिंह बच्चन, १९८३, पान ७०.

[218] डॉ. पाण्डेय माधुरी, निराला के साहित्य में समसामायिक बोध, संजय बुक सेन्टर, गोलघर वाराणसी, प्रथम संस्करण- १९९८, पान ९१

[219] डॉ. पाण्डेय माधुरी, १९९८, पान ८९

[220] तत्रैव, पान ८९

[221] च्यारी रुपा, २००३, पान २४९.

[222] डॉ. सक्सेना द्वारिकाप्रसाद, पान २०८

[223] डॉ. तिवारी भगवान, बिम्बवाद, बिम्ब और आधुनिक हिन्दी - कविता, अरविन्द प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण, १९९२, पान १३९ – १४०.

[224] भट्ट वी. वेंकटरमण, १९९९, पान २१७

[225] नायक दत्ता दामोदर, २००२, पान १-३१.
[226] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ५.

[227] थळी मुकेश, २००७, पान २५.

[228] भांगी पांडुरंग, २००६, पान ८.

[229] केळेकार रवीन्द्र, २००७, पान १७

[230] केळेकार रवीन्द्र, १९७७, पान ७९

## निश्कर्श

"कोंकणी निबंध लेखन समाजशास्त्रीय अध्ययन " ह्या प्रबंधांत चार कोंकणी निबंधकारांच्या निबंधांचो समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान अभ्यास केला. रवीन्द्र केळेकार, पांडुरंग भांगी, दत्ता दामोदर नायक आनी मुकेश थळी हे चार निबंधकार हांवें वेंचल्यात.

पयल्या अध्यायांत अभ्यासा खातीर घेतिल्ल्या निबंध संग्रहांतलीं समाजीक तत्वां सोदपा खातीर गरजेचें आशिल्लें समाजशास्त्र, समाजाचे वेगळे वेगळे प्रकार, समाजशास्त्राचें विश्लेशण, ताचो अर्थ, परिभाशा आनी इतिहास, ह्या शास्त्राचो उद्देश, उपयोग आनी महत्व, समाजशास्त्राचे हेर विज्ञानां कडेन आशिल्ले संबंध आनी समाजशास्त्राचे वेगळे वेगळे फांटे हांचें विस्तारान विवेचन आयलां, उपरांत समाज आनी संस्कृती, संस्कृती आनी सभ्यता, संस्कृती आनी कला, साहित्य एक कलेचो प्रकार कशे तरेन आसता, साहित्य आनी समाजाचो परस्पर संबंध कसो आसता, साहित्यांतल्यान समाजाचो सोद कशे तरेन घेवं येता, साहित्याची प्रक्रिया आनी ताचे तीन पक्ष, साहित्यकृती, वाचपी हांचे संबंध साहित्यीक मूल्य म्हणल्यार कितें, साहित्यकाराचो दृश्टिकोण, साहित्याची मर्यादा हांचो सगल्यांचो थाव घेवपाचो यत्न केला. निमाणे कडेन साहित्याचें समाजशास्त्र म्हणल्यार कितें आनी ह्या शास्त्राचो उद्देश कितें हाचें विवेचन केलां.

ह्या अभ्यासा खातीर मुखेलपणान विलास संगवे हांच्या समाजशास्त्रा वयल्या अभ्यासाचो आधार घेतला. ते भायर आनिकूय कांय संबंधीत संशोधनाचे संदर्भ घेवन म्हजो विचार विकसीत केला.

समाजस्तरा वयल्या मनशाचो एक उद्धेश आसता. समाजाच्या वेगवेगळ्या प्रकारांतल्यान समाजाचे वेगवेगळे पांवडे आसात हें नदरेक येता. अशे तरेन वेगवेगळे समाजांतले मनीस आपल्या समाजाच्या प्रकारां प्रमाण वागतात. समजशास्त्राचें महत्व समजतना समाज कितलो अस्थीर आसता हें जाणवता. हेच पासत केन्ना समाज निटायेचो

दिसता तर केन्ना समाजांत आगळिको जाल्ल्याचें दिसता. देखीक - बेकारी, गुन्यांव, भ्रश्टाचार आदी. लेखकाची संवेदना सामान्य मनशांच्या संवेदनां परस खर, वेगळी आनी असामान्य आसता. तेच पासत लेखक हेरांपरस वेगळो थारता. आपलें साहित्य रचून लेखक समाज सुधारपाचे दिकेन यत्न करता. समाजांत खंयचेंय वायट कृत्य घडलें जाल्यार आपल्या साहित्यांतल्यान लेखक खरेपण दाखोवन दिता. हें दाखोवन दितना ताचो आपलो स्वार्थ केन्नाच आसना. फक्त समाजांतलो अणभव मांडपाचो यत्न आसता. लेखक जें रचता तें सगळें समाजाच्या हिता खातीर आसता. तो आपल्या साहित्याचो परिणाम बरो जातलो हाची आस्त बाळगीता. ह्या विचारविश्वांत लेखक समाजांत रावपी दादले, बायलो आनी भुरग्यांचो वेव्हार चितारपाचो यत्न करता. केन्ना केन्ना सरळ समाजांतल्यो घडणुको कागदाचेर मांडपाक तितलेंच धाडस जाय पडटा. लेखकान मांडिल्ल्या साहित्याचो एखाद्रो बरो वा वायट परिणाम समाजाचेर जाता म्हण साहित्याची विचारपुर्वक मांडणी करची पडटा.

समाजांतल्या ताज्या आनी चलंत घडणुकांचेर लेखक विचार करता. मागीर त्या घडणुकांचो पुनर्विचार करून आपले परिन त्यो घडणुको मांडटा. हें सगळें करतना ती घडणूक तपासून, ते घडणुकेचें विस्तारान अनुमान लायता.

लेखकाक बरप करतना समाजांतल्यो रूढी, परंपरा, धर्म, संस्कृतीचो विचार करचो पडटा. जितल्या स्वरुपांत ताचें बरप संवेदनक्षम आनी खर स्वरुपाचें आसता तितलेंच तें सामान्य मनशांक समजूंक जाय, हाचीय जतनाय तो घेता तेन्नाच लेखकाची कला यशस्वी जाल्या अशें म्हणूं येता. दर एक संवेदना कागदाचेर व्यक्त करतलो जाल्यार खूब दीस पयलीं त्या समाजीक घटनेचें मंथन करचें पडटा. तेन्नाच ते साहित्य कृतीक सुंदर कल्पना आनी भेस चडटा. साहित्यांत खरेपण आनी निर्मळपण कितलें आसा त्या आदाराचेर साहित्य वेगळें थारता. मागीर विशया प्रमाण ताका आकार दिवप जाता. तातूंतल्यान कथा, नाटक, लेख, कविता, कादंबरी, निबंध, नवलकथा हांची निर्मणी जाता. साहित्य आनी समाजाचो परस्पर संबंध ह्या विशयाचेर संशोधन करतना अशें लेगीत नदरेक येता तो लेखक आनीक खंयचोच काम- धंदो कळनाशिल्ल्यान आपल्या पोटाचो प्रस्न सोडोवपा खातीर साहित्य रचता, तेन्ना तो त्या

विशयाक वा ते घडणुकेक तितलो न्याय दिवपाक पावना. आपल्या साहित्याचो खप वाडपाक जाय हे पासत आपल्या वैचारीक आनी भावनीक तत्वांकडेन एकनिश्ट रावनासतना बरोवपाचो ओघ वाडयता. अशें करतना केन्ना केन्ना साहित्याचें खरें सत्व ना जांवक शकता. अलायतो भेस साहित्याक चडटकच खंयच्याय साहित्य घटकाक बांधील आशिल्ले नेम पयसावतात. साहित्याची तत्वगिन्यानी वा समाजीक मुल्यां लेगीत ना जातात. हीं दोनूय मुल्यां साहित्याक म्हत्वाचीं आसत. कित्याक तर खंयचेंय साहित्य वाचतकच तातूंतल्यान वाचप्याक बोध मेळपाक जाय आनी समाज सुधारणे खातीर मनीस आनी पुराय समाज जागो जावपाक जाय होच साहित्याचो मुखेल उद्देश आसता. अशे तरेन हे निश्कर्श काडूं येतात.

दुसया अध्यायांत निबंध ह्या साहित्य प्रकाराचें विस्तारान विवेचन केलां. निबंध म्हणल्यार कितें, वेगवेगळ्या वेगळ्या अभ्यासकांनी केल्ल्यो ह्या प्रकाराच्यो परिभाशा, निबंधाचे वेगळे वेगळे प्रकार, निबंधांत पडबिंबीत जावपी लेखकाच्या व्याक्तिमत्वाचे आयाम, ह्या साहित्य प्रकाराचो थोडे भितर इतिहास, वैश्वीक, भारतीय, आनी कोंकणी निबंध लेखन शैलीचे प्रकार ह्या सगळ्यांचो अभ्यास आयला. कोंकणी निबंधाचेर भर दिवनूच ते नदरेंतल्यान ह्या सगळ्या विशयांची मांडावळ आयल्या. ह्या अध्यायांचेर संशोधन केले उपरांत निबंध ह्या शब्दाच्या अर्थाचेर विद्वानांचें एकमत नाशिल्ल्याचें जाणवता. कोण ताका व्याक्तिगत बरप वा कोण बुद्धींतल्यान उत्पन्न जाल्ले विचार म्हणटा. हें नदरेक येता, पूण ह्या सगळ्या मतांचेर विचार केलो जाल्यार निबंध म्हणल्यार लेखकाक जे अणभव आयल्यात तांचें गद्य शाब्दीक रुपांतरण अशें म्हणूं येता.

आर्विल्या काळार निबधांची सुरवात "उदेन्तेचें साळक" १८८९ ह्या रोमी लिपयेंतल्या नेमाळ्यांतल्यान जाली जावंक जाय. देवनागरी लिपयेच्या संदर्भांत शणै गोंयबाबन कोंकणी ललीत निबंधाची बुनयाद घातली आनी तेन्ना सावन कोंकणी निबंधाची परंपरा सुरू जाली. पूण १९३३ शणै गोंयबाबाल्या गोमन्तपनिषत् (पलें खंड) ह्या पुस्तका सावन कोंकणी देवनागरी निबंध लेखन जाल्लें मेळटा. कोंकणी निबंधाच्या प्रकारांत फक्त वैचारीक निबंध, प्रवास निबंध

आनी ललीत निबंधांक पोसवण मेळटा. कोंकणी निबंधांत हेर तरांचे निबंध, देखीक, - संवादात्मक निबंध, मनोवैज्ञानीक निबंध आदी, भोव उण्या प्रमाणांत मेळटात अशें म्हज्या अभ्यासा वयल्यान हांव म्हणटां. हे तरेचे निबंध हेर भासांचें निबंधाचे साहित्य वाचतना नदरेक येतात. हे भाशेन चडशे वेगळे विशय आनी वेगळे प्रकार घेवन कोंकणी निबंध विकसीत जावपाक जाय अशें म्हणन दिसता.

तिसया अध्यायांत कोंकणी निबंधांत गोंय कशें दिश्टी पडटा, गोंयचें सैम, गोंयचो इतिहास, गोंयचो समाज, तातुंतूय बायल मनशेचे जिणेंतले बदल, वेगळ्या वेगळ्या धर्मीक पोट समाजांचें निबंधांत जाल्लें चित्रण, गोंयची संस्कृताय आनी अस्मिताय, गोंयची राजकी फाटभूंय, अर्थीक फाटभूंय, शिक्षणीक फाटभूंय ह्या सगळ्याचो विस्तारान अभ्यास आयला मेकळ्या गोंयांत चलिल्ली कोंकणी अस्मितायेची चळवळ आनी तातूंतल्यान गोंयचो समाज, गोंयांतले राजवटी प्रमाण कसो बदलत गेलो हाचें अध्ययन केलां. निबंधांचो प्रवास तांचें साहित्यीक यूग हाचो अभ्यास हांवें तिसया अध्यायांत केला. थंय इतिहासा वांगडा समाज आनी संस्कृती कशी बदलत गेल्या तशेंच कोंकणीची भूगोलिक परिस्थिती कोंकणी समाजाचो इतिहास कसो तयार करता हाचो पुराय नियाळ घेतला. पुर्तुगेज शेकातळा गोंयचें पुराय समाजीक चित्र बदल्लें. वागणूक, धर्म, खाणा जेवणाच्यो पद्धती बदल्ल्यो. गोंयच्याच मनशांक गोंयच्यान भायर भितर सरपाक पुर्तुगेजां कडच्यान मेकळीक नासली. गोंयात मेकळेपणान जगप खूब कठीण जाल्लें हे संशोधन करतना नदरेक आयलें. गोंयाक जायत्या संकश्टाक तोंड दिवचें पडलें. देखीक, - धर्मांतरण, संस्कृती बदल, भाशेच्या मरणाचें फर्माण. ह्या बदलांतल्यान जायते समाजीक प्रस्न गोंयांत निर्माण जालें आनी हिन्दू समाजांत जायते बरे बदलूय जाले.

आधुनीक गोंयची पारखणी करता आसतना गोंयचो मुसलमान समाज लेगीत बदलता, बदल्ला हाची जाणीव जाता. गोंयच्या समाजाची खाणा जेवणाची, न्हेसपाची आनी वागपाची संस्कृताय बदल्ल्या हाची जाणीव संशोधन करतना

नदरेक येता. उद्योगीकरण जाता तेन्ना सैम कशें बदलता हाचेर विचार मांडल्यात. ह्या उद्योगीकीकरणाक लागून गोंयांत आधुनिकीकरण पावल मारपाक लागता हें संशोधन करतना नदरेक येता.

आधुनीक गोंयांत बायलेची परिस्थिती कशी बदल्ल्या हाचेर उजवाड घातला. पयलीं बायलेक तितली मेकळीक नाशिल्ली पूण जसो जसो समाज आनी साहित्य बदलत गेलें तशी गोंयचे बायलेची स्थिती बदलत गेली. मुसलमान बायल मनीस समाजांत आपलो प्रस्न मेकळेपणान पयली मांडूक शकनासली ती आधुनीक गोंयांत समाजालागीं झुजताना नदरेक येता. गोंयचो समाज आनी खासा करून गोंयकार सुशेगाद म्हण गोंया भायर फामाद आसा पूण संशोधन करतना गोंयचो समाज सुशेगात आशिल्लो, आनी हळू हळू गोंयचो समाज कितलो बदल्ला हें नदरेक आयली. पुर्तुगेज काळांत गोंयांत तितली उदरगत नदरेक येना. कित्याक तर तेन्ना लोक ह्या चेपणा खाला वावुरताले. इतल्यो ह्यो आगळिको गोंयच्या समाजाचेर जावन लेगीत गोंयच्या समाजांत एकचार नदरेक येता. हांगा आंतरजातीय आंतरधर्मिक लग्नां जावपाक लागल्यांत. समाजाचो तितलोसो विरोधूय ह्या लग्नांक दिसना. हाचो अर्थ तितल्याच आप खोशयेन गोंयचो समाज बदल आपणावंक लागला. गोंयची संस्कृताय हांगाच्या वेवसाय धंद्यांतल्यान नदरेक येता. देखीक, नुस्तेकार रेंदेर, पदेर, रायबारी हे सगळे कोंकणी निबंधांनी जायते फावटीं मेळटात. ह्याच निबंधांतल्यान गोंयचो समाज संशोधनूय करतना नदरेक येता.

इतलेंच न्हय तर गोंयच्या समाजांत उपराशिल्ले वेगवेगळे वाद आनी चळवळी, ह्या, चळवळींचो कोंकणी साहित्याचेर, मुखेलपणान निबंधलेखनाचेर पडिल्लो प्रभाव हाचोय थाव घेवपाचो यत्न केला. गोंयांत समाजीक बदलांचोय विचार ह्या अध्यायांत केला. कारण ह्या बदलांचो कोंकणी निबंधाचेर खूब प्रभाव पडिल्लो पळोवंक मेळटा.

चवथ्या अध्ययांत अभ्यासा खातीर निबंध लेखकांच्या निबंध कृतीचें समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान मुखेलपणान तांच्या विचारांच्या आनी विशयांचे नदरेंतल्यान विश्लेशण केलां.

म्हजें संशोधन कोंकणी निबंधा विशीं समाजशास्त्रीय नदरेंतल्यान चार निबंधकारांचो थाव घेवपाचो यत्न करता. रवीन्द्रकेळेकार, पाडुरं गभागी, दत्ता दामोदर नायक आनी मुकेश थळी हांच्या साहित्यांत खरेपण दिश्टी पडटा. तें खरेपण समाजाक पटपा सारकें आसपाक जाय. तेन्नाच खंयच्याय साहित्याचो बरो वायट परिणाम थारता. हो परिणाम सोदपाचें कार्य ह्या संशोधनांत केलां. संशोधन करतना हांवें फकत रवीन्द्रबाबाचें "सांगाती", "वेळेवयल्यो घुलो" आनी "ओथांबे" हे निबंध संग्रह अभ्यासपाक घेतल्यात. ह्याच निबंधांच्या संग्रहाच्या संदर्भांत म्हजे विचार मांडल्यात.

रवीन्द्र केळेकार हांचे ल्हान ल्हान निबंध अभ्यासपाक घेतल्यात. हे सगळे निबंध म्हणल्यार तांकां आयिल्ले अणभव आसात. तांचो ल्हान निबंधांचो प्रयोग कोंकणी भाशे खातीर नवो आसा. तांच्या निबंध संग्रहांत चडशे चिंतनात्मक निबंध आसात. तांच्या दर एका निबंधांत तांचो शांत आनी शितळ स्वभाव जाणवता. रवीन्द्रबाबांच्या निबंधांतले विचार चड करून समाजीक, राजकी, अर्थीक आसात.

देखीक - "वेळेवयल्यो घुलो" ह्या निबंध संग्रहांत रवीन्द्रबाब लोहियांच्या सोशीकपणाची तोखणाय करता पान (१२५). लोहियांच्या अपेसांत लोकशायेचें अपेस आसा हाची खंत ते व्यक्त करतात. पूण हें दु :ख लेखकाचें गोंयच्या संदर्भांत आशिल्ल्याचें जाणवता. रवीन्द्रबाबाच्या दर एका निबंधांत विचारांची खोलाय आनी जिणेचें म्हत्व नदरेक येता. देखीक- "ओथांबे" ह्या निबंध संग्रहांत लेखकाच्या म्हणण्या प्रमाण मेले उपरांत लोक तुका विसरले जाल्यार सगळें व्हडपण काबार जाता (पान ७०). तांच्या मता प्रमाण, मेले उपरांत लोकांनी तुजी याद काडपाक

जाय, तुजो प्रभाव उरपाक जाय. दर एका निबंधांतल्यान थिराय जाणवता. लेखक आमकां जिणे भायलें सांगना तर सदचे जिणेंत ज्या तत्वांचो आमी वापर करतात तांचेच विशीं सांगता देखीक- जियेवपा खातीर मनशाक कसलें न्हय कसलें तरी काम मेळुंकच जाय, अशे तरेचे सामान्य मनशाक आकलन जायत अशें ज्ञान लेखक दिवपाचो यत्न करता (पान ४१ "ओथांबे"). लेखकांचे लेखणेचेर गांधी आनी काकासाहेब हांचो प्रभाव आसा हें जाणवता. तेच तरेन रवीन्द्रबाबांच्या मता प्रमाण समाज बदलपाक सोदना, इल्लो लेगीत समाजांत बदल जालो जाल्यार पुराय समाजांत बोवाळ जाता. हें दाखोवन दिवपाचोय यत्न लेखकान आपल्याबरपांत केला. रवीनद्रबाबांच्या मनाची खोलाय ह्या चिंतनांतल्यान पळोवपाक मेळटा. तांच्या एका निबंधांत कीड पांयां पोंदा पडून मरता तेन्ना लेखकाक दुःख जाल्ल्याचें जाणवता. लेखक सैमीक चक्र लेगीत सामान्य मनशाक समजावपाचो यत्न करता. समाजांतल्या दर एका मनशाक सैमीक चक्र खबर आसपाक जाय अशें रवीन्द्रबाबाक दिसता. इतिहासीक आनी संस्कृतीक विचारूय ह्या निबंधांनी मेळटात गावडो आनी कुणबी समाजाची संस्कृती आनी इतिहाचेर समजणी मेळटा. ह्या जातीं बद्दल समाजाचो चुकीचो समज लेखक पयस करता. संस्कृती मनशा प्रमाण बदलता हाची जाणीव करून दिता. दर एक मनीस आपल्या विचारा प्रमाण वेगळो आसता. स्वातंत्र्य मेळटकच आमचो समाज गांधीक विसरून गेला ताचो उगडास लेखक करता. आनी गांधींचें म्हत्व सिद्ध करता. लेखक समाजांतल्या गरीब मनशां विशीं दुःख उकतायता. पयलीं जेन्ना एक भिकारी बायल रवीन्द्रबाबा लागीं जेवण मागता तेन्ना तो तिचेर तणशेता. पूण समाजीक जाणीव आशिल्लो हो लेखक जेवपाक वता तेन्ना मात दुःखी जाता. ताका परत परत ते भिकारी बायलेचो उगडास येवपाक लागता आनी जेवपाची वान्सा लेगीत उरना. कवीतेचे म्हत्व सांगतना लेखक खंयचीय कविता वा कला समाजाच्या हिता खातीर आसता ही गजाल स्पश्ट करता. समाजांतल्या बायल मनशेचेर लेखकाचे विचार पळोवपाक मेळटात. समाजांतली बायल मनीस अबला नासून ती बलवान आशिल्ल्याचें लेखक सांगता. बायलेच्या बळाचो अदमास दाखोवन दिता. आमच्या समाजांत घोव बायले मदें एकताय येवपाक जाय हाचेर आपले विचार व्यक्त करता. तेच

तरेन घोवा कडल्यान बायलेक मान मेळूंक जाय अशें लेखकाक दिसता. बायल मनशेक आपल्या सौदर्याचो सांबाळ करपाची शिटकावणी दिल्या.

पांडुरंग भांगींच्या निबंधांनी इतिहासाचें म्हत्व स्पश्ट जाता. इतिहास समाजा खातीर म्हत्वाचो आसता. राष्ट्रकूट आनी कदंब जांचो गोंय राज्याचेर शेक आशिल्ले तांचो उल्लेख ते करतात आनी तेच तरेन समाजांत व्याभिचार माततकच ताचे दुश्परिणाम कशे जातात हाचेर खंत व्यक्त करतात. लेखक गोंयच्या समाजाच्या संदर्भांत विचार करतात. गोंयच्या मनशांविशीं खंत उक्तायतात, तांच्या मता प्रमाण गोंयांत कला जल्मता पूण ते कलेची वाड गोंयांत जावपाक पावना. गोंयच्या लोकांक कसलेच कलेची आवड ना. फक्त दुडवांच्या फाटल्यान धांवप आनी नाडपणाचे वेव्हार करप हाची जाणीव लेखक करून दिता (पान १८). कांय कांय कडेन तर पांडुरंगबाब कवी जावन उलयता देखीक "तणान तुज्या पायांकडे तकली बागोन" (पान ५) गोंयचें सैम कशें इबाडत चल्लां ते जाणोवन दिवन लेखक सैमीक जागरुताय करपाक सोदता. राजकारण म्हणल्यार धंदो जाला हें सांगून पांडुरंगबाब समाजाक शिटकावणी दितात.

दत्ता दामोदर नायक आपल्या "जाय काय जूय..." ह्या निबंध संग्रहांतल्यान गरीब लोकांविशीं लेखकान काकूळट आनी तळमळ दिसून येता. नागव्याची काणी ह्या निबंधांत लेखक सामकेच भावनीक आशिल्ल्याचे जाणवतात. गरीब मनशांचे वटेन आमचें समाजीक कर्तव्य आसता हाची जाणीव ह्या निबंधांतल्यान ते करून दितात. मंदार मरतकच लेखक दुःखी जातात. हांगा तांचो भुरग्यांचो मोग पळोवपाक मेळटा. सादीका सारकेल्या निबंधांत तर राजकीय वातावरण समाजा खातीर कितलें भयानक जाता हाचेर लेखक आपले विचार व्यक्त करतात.

समाजांत मनशांक जितलें म्हत्व आसा तितलेंच मोनजातीक लेगीत आसता. समाज हो नात्याच्या आदारान उबो आसता. "जाय काय जूय" ह्या निबंधाच्या माध्यमांतल्यान भावाभयणीच्या नात्या विशीं लेखक वेगळेपण दाखोवन दिता. भाव सदांच भयणी खातीर आदार आसता. हांगा पुरूश आनी स्त्रीचें वेगळे नातें नदरेक येता.

गोंयच्या सामान्य मनशाक गोंयच्या सरकारी कार्यालयांत जो त्रास जाता तो मुकेश थळी नदरेक हाडपाचो यत्न करता. सैमीक प्रदूशण आसता हें सगळ्यांनी आयकलां आसतलें पूण मुकेशबाब मनशांच्या मनांत कसले तरेचे प्रदूशण जाता हें दाखयतात. कोंकणी मनीस आपल्याक कसल्याच कामाक फाटीं समजना हो कोंकणी समाजाचो गूण दाखयता. मुकेशबाब ल्हान ल्हान देखी दिवन आपल्या निबंधांतल्यान समाजाक योग्य वळणार हाडपाचो यत्न करता. शारीकरणाची खंत उक्ताडार हाडटात पाचो यत्न लेखकान केला. ह्या शारीकरणा खातीर समाजांत लेगीत बदल येता. मनीस आपल्यो गरजो भागोवपा खातीर सैमाचो इबाड करता हें दाखयता.

"तृप्तीचो धेंकर" ह्या निबंधात तर मनीस तानेन सामको मरपाक पावता पूण समाजीक भ्रश्टाचार उदकाची तजवीज करपाक पावना. थोडेशें विनोदी पद्धतीचो हो निबंध आसा पूण ह्या विनोदांतल्यान लेगीत लेखक उदक मेळना हो समाजीक प्रस्न आशिल्ल्याचें दाखोवन दितात. ह्या निबंध संग्रहांत समाजाच्या संशोधनाचो मुखेलपणान आधार घेतला.

पांचव्या अध्यायांत "समाजशास्त्रीय निबंधाची भाशा, शैली आनी शिल्प" हातूंत कोंकणी निबंधाचो भाशा, शैली आनी शिल्प ह्या तीन आंगांनी अभ्यास केला. रवीन्द्रबाब, पांडुरंग भांगी, दत्ता दामोदर नायक आनी मुकेश थळी हांच्या निबंधांच्या अभ्यासांतल्यान कोंकणी निबंधाची भास, शैली आनी ताचें शिल्प हांचेर उजवाड घाला.

भास आनी शैलीचो संबंध आसताच लेखकाची भाशा तरातरांचे प्रभाव घेवन घडिल्ली आसता. खंयचो लेखक खंयच्या समाजीक वातावरणांत वाडला त्या समाजीक वातावरणाचो परिणाम त्या लेखकाचेर दिसता.

लेखक गांवगिया वाठारांत वाडला जाल्यार तो वाठार लेखकाच्या साहित्यांत गांवगिरे भाशेच्या रुपांत दिसून येता. लेखकाचे लेखणेंतल्यान त्या समाजा पुरतो तो काळ समाजा वयले त्या काळाचे प्रभाव सरळ नदरेक येतात. देख

घेवची जाल्यार रवीन्द्रबाब जी कोंकणी भास आपल्या निबंधांनी वापरतात ताचेर पुर्तुगेज, गुजराती, मराठी, हिन्दी आनी इंग्लीश ह्या भासांचो प्रभाव जाणवता. हातूंतल्यान तांची भाशा शैली तयार जाता.

रवीन्द्रबाबांच्या निबंधांत सदांच समाज सुधारणेचें ध्येय नदरेक येता. तेच तरेन तांकां वाचप्याक कितें सांगपाक जाय तें स्पश्टपणान नदरेन येता. साद्या सोप्या सरळ आनी ल्हान ल्हान वाक्यांनी व्हड समाजिक तत्वगिन्यानी विचार लेखक मांडपाचो प्रयत्न करता. तांची जीण तांच्या साहित्यांतल्यान उकती जाता. तशेंच तांच्या साहित्यांतले भाशेतले म्हौंवाळपण जाणवता आनी तांच्या सभावाची जाणीव जाता. समाजाक सुधारपाची तळमळ तांच्या साहित्यांतल्यान दिसता. बायलांचे प्रस्न, शिक्षणीक प्रस्न, राजकीय प्रस्न, लोकांचो अंधविश्वास समाजांतल्यो वायट चाली रिती पयस करपाचें कार्य तांच्या साहित्यांत जाणवता. आपले साहित्य एक शस्त्र लेखून समाजांत जें वायट जाता तें त्या शस्त्राच्या आधारान ना करून उडोवपाचो यत्न दिश्टी पडटा. समाजाक पारखुपाची निरीक्षण शक्त तांच्या साहित्यांत नदरेक येता. देखीक - उपास काडून गोंय स्वतंत्र जावूं हाची खंत स्वताक करून घेवप. रवीन्द्रबाबांची शैली भावनीक आशिल्ल्याचें जाणवता. बायलां बद्दल ते आपले विचार व्यक्त करतात. हिन्दू समाजांत बायलेक मान आसा अशें म्हटलें जाल्यार लेगीत सत परिस्थिती तशी ना हाचेर लेखक भावनीक जाल्ले दिसतात.

पाडुरंग भांगींचे निबंध चड करून आत्मनिवेदनात्मक शैलींत उकते जातात. हाका लागून तातूंत अध्यात्मीकता चड जाणवता आनी केन्ना केन्ना ते इतले गूढ जातात की समजपाक कठीण जाता.

दत्ता दामोदर नायक प्रवास वर्णन करतना सैमांतली सुंदरताय व्यक्त करतात पूण तो बोध रवीद्रबाबांच्या परस वेगळो अणभव दिता.

तांच्या निबंधांत थोडोसो काव्यात्मक शैलीचो स्वाद येता. कित्याक तर निबंधांतले चडशे शब्द काव्य कशे वाचतना भासतात. तर मुकेश थळी आपल्या व्यंग्यात्मक शैलीचो उपेग अशे रितीन करता की तातूंतल्यान हास्या वांगडाच कांय गजालींचेर टिकाय करतात ती नदरेक येता.

शिल्पाच्या नदरेन विचार केलो जाल्यार रवीन्द्रबाब आनी पाडुरंगबाबचे निबंधाचे शिल्प चिंतनात्मक आसात. दत्ताबाबाचे निबंध कथनात्मक आनी वर्णनात्मक आसात. मुकेशबाबाचे निबंधाचे शिल्प दिसाळ्याच्या खबरावरी आसात. बिम्ब आनी प्रतीकाचो अभ्यास करता तेन्ना निबंधात लेगीत बिम्ब आनी प्रतीका आशिल्ल्याचे जाणवता.

# आदारावळ

## कोंकणी


आल्मेदा मॅथ्यूः भास आनी भासविज्ञान. (संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

आंगले प्रभाकरः अर्थीक नदरेंतल्यान विशाल गोमंतक, (संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९७७

एन शिवदासः गोंयांतली कोंकणी साहित्यांतलीं खाशेलपणां आनी प्रदेशीक लक्षणां, सं. नायक भिकू बोमी, कोंकणी दिवाळी, कोंकणी भाशा मंडळ, नित्यानंद नायक, २००५

करमली नागेशः कोंकणी नेमाळीं - एक इतिहास नियाळ, (संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

---------------: (बंदखणीतली कोंकणी 'जोत'!), संपा शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, खास अंक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, १९८५

---------------: (कोंकणी लेखन परिशद दुस-या अधिवेशना वेळार वाचिल्ले निबंद, जैताचें आनीक एक पावल, करमली नागेश कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, पणजी, उद्घाटक श्री गोपाळ आपा कामत (गोंय, दामांव आनी दीव विधानसेभेचे अध्यक्ष) हांचें उलोवप, १९७०

कामत वासुदेवः सारस्वत, गोंयचो हिंदू आनी प्रजासत्ताक, ह्या दो. नोरोन्य आंतोनियु द्, हांच्या पुस्तकाचो संक्षिप्त अणकार, चैत्र - ज्येष्ठ - १९१६

कार्दोज फेलीस्युः कोंकणी शब्दकोश आनी व्याकरणां, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी,

म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

कुंकळयेंकार सुशांतः 'कोंकणी भाशेंत रिगिल्लीं पुर्तुगेज उतरां 'संपा. नायक राजू, कोंकणी दिवाळी अंक, प्रकाशक- सुशांत कुंकळयेंकार, १९९७

कुडचडकार जयेश चित्राः **मनाचो हारसो**, कुळागर प्रकाशन, मडगांव, १९९६

केळेकार रवीन्द्रः (कोंकणी लेखन परिशद दुस-या अधिवेशना वेळार वाचिल्ले निबंद, जैताचें आनीक एक पावल, कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, पणजी, अध्यक्ष केळेकार रवीन्द्र हांचें उलोवप, १९७०

----------------: साहित्या संबंदान अघळ पघळ इल्लेंशे, संपा. डॉ. हळर्णकार तानाजी, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९८६-८७

----------------: **सांगाती (चिंतनां)**, सुमन्त रामचंद्र केळेकार, जाग प्रकाशन, प्रियोळ, माड्डोळ- गोंय, १९७७

----------------:**ओथांबे (चिंतनां)**, माणिकपद्म प्रकाशन- बांदोडें, १९९९

----------------: **वेळे वयल्यो घुलो (चिंतनां)**, जाग प्रकाशन, प्रियोळ, माड्डोळ - गोंय, दुसरी उजवाडावणी २००७

---------------: **भौ- भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र**, उदय लक्ष्मीकान्त भेंब्रो, कोंकणी भाशा मंडळ, ९ एप्रील १९७४

---------------:गोंयची संस्कृती, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

--------------: गोंयच्यो शिमो वाडोवया, संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी

भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, रवीन्द्र केळेकार, १९७७

केळेकार गुरूनाथः **इंग्लीश- कोंकणी शब्दकोश**, Focus Press (P) Ltd. १९९७

केणी चंद्रकांतः **बिंबां पडबिंम्बां**, १९८९

------------: **गोंय आनी गोंयकार**, साहिल प्रकाशन पणजी, २००४

-------------: साहित्याक मातयेचो वास. संपा. डॉ हळर्णकार तानाजी, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ मडगांव गोंय, १९८७ -८८

-------------: सात दर्याचेर जीण तरी आमी गोंयचे गोंयकार, संपादक - दिलीप बोरकार, बिम्ब , प्रकाशक दिलीप बोरकार, जानेवारी २००४

--------------: ललित साहित्याच्या रंगरूपाची एक पारख, वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

-------------: कोंकणी साहित्य आनी समाज, संपा शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, १९८१

गुडे उदयः **अमुरपिक्यो चिंचो**, बिम्ब प्रकाशन, २००६

गोमिश् ओलिव्हीञ्युः **कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास**, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर गोंय, १९९६

-----------------: **सोळाव्या शेंकड्या- आदलें कोंकणी रामायण**, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव, तळपार, गोंय, पयली उजवाडणी २८ मार्स, १९९६

----------------:**कोंकणी मानसगंगोत्री, कोंकणी सरस्पतिचो इतिहास**, कोंकणी सरस्पत प्रकाशन - चांदर गोंय २०००

-------------------: कोंकणीचेर हेर भासांचो प्रभाव, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी,

म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

------------------: गोंयचो राजकी इतिहास, भुगोल, सैंब हांचो गोंयच्या समाज जिणेचेर जाल्लो असर, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

-----------------: गोंयची समाज बांदावळः क्रिस्तांव उपसमाज- समाजीक जीण, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

जुवारकार रामकृष्णः **मंत्राक्षता**, चामुंडा प्रकाशन, २००५

तडकोडकार प्रियदर्शिनीः कोंकणी कवितेचे अंतः प्रवाह, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

---------------------: कोंकणी साहित्याच्यो सांस्कृतीक शिमो : भोवंडे - वर्णन आनी ललीत निबंध संपा - रवीन्द्र केळेकार, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय, जाग, डिसेंबर २००२,

तळवणेकार प्रकाशः **गोंय आनी गोंयकारपण**, गोवा कोंकणी अकादेमी बोरी फोडें गोंय, मार्च २००१

थळी प्रकाशः गोंयचें संस्कृतीक दायज - रंगमाची, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा

मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

-------------: कोंकणी निबंध एक अभ्यास, संपा. केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ म्हाड्डोळ, गोंय, दिवाळी अंक, १९८५

थळी मुकेशः **वळेसर**, जैत प्रकाशन, २००७

दणायत जयमालाः **करबट**, राजहंस वितरण, १९९४

---------------: **आंबाड्या भोंवतीं तीन शेंवतीं**, बिम्ब प्रकाशन, २००६

देशपांडे कमलादेवी रावः **सैम - सांगात**, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००२

देसाय गुणाजी सदानंदः शणै गोंयबाबांलें कोंकणी साहित्य आनी समाजीक चेतना, गोंय विद्यापीठ, ताळगांव, पठार, गोंय, unpublished Ph.D thesis, २००८

नागवेंकार हरिश्चंद्रः कोंकणी समिक्षा- बरपांतली ललीत साहित्याची पारखणी, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय**, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

नायक दत्ता दामोदरः **जाय काय जूय?**, बिम्ब प्रकाशन, २००२

नायक नीरजः कोंकणी आनी पर्यावरणाचे चळवळीची सांगड घालूकूच जाय, संपा. नायक राजू, कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, डॉ हळर्णकार तानाजी, मडगांव गोंय, १९९५

नायक रा. नाः **शणै गोंयबाब**, साहित्य अकादेमी, नई दिल्ली, २००१

नायक प्रताप, जे. सः **सोळाव्या शेंकड्यांतलें कोंकणी म्हाभारत आदि पर्व,** टॉमस स्टीवन्स कोंकणी केंद्र पणजी गोंय १९९०

नायक पुंडलीकः कोंकणी रंगमाची, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी

कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

नायक जयंतीः बनवड गायनांतल्यान कोंकणी अस्मितायेचें जतन, संपा. वेरेंकार श्याम, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, नायक जयंती, २००२

--------------: **लोकमंथन,** राजाई प्रकाशन, आमोणें, केपे, गोंय, २००८

वेळुस्कार नेत्राः मडवळ, सं - आलमेदा माते, जे. स, सोद ६, टॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, २००४

पै कुंदाः गोंयांत गोंयकारांच्या हितसंबंदाची राखण, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, दिवाळी अंक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश, १९८५

पयर्येकार प्रकाशः **दवरणें**, भूमि प्रकाशन, सावर्शे, सत्तरी, -गोंय, २००५

फडके श्रीधर शंकरः **दोंगरावेलीं मनशां**, सोशल रीसर्च इन्स्टिट्यूट, परशूराम, १९९४

बुडकुले किरणः **पश्चिमी समिक्षेकडेन इश्टागत**, राजहंस वितरण, राजहंस वितरण, पणजी, १९९५

बोरकार सुरेश, थळी मुकेश, घाणेकार दामोदरः **कोंकणी - इंग्लीश शब्द कोश,** भिडे प्रभाकर, राजहंस वितरण, २००३

बोरकार दिलीपः निबंद कसो शिकोवचो, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

--------------: सात लाख गोंयकार आमी युग नवें फुलयतलें.... संपा. बोरकार दिलीप, बिम्ब, प्रकाशक दिलीप बोरकार, जानेवारी २००५

बोरकार माधव, आचार्य योगिनीः कोकासाहेबांक लागून जिविताक अर्थ, सं नायक प्रशांत, कोंकणी दिवाळी २००८, कोंकणी भाशा मंडळ

बांदेकार श्रीकांत संदेशः म्हाका आवडलेलें कोंकणी पुस्तक, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, विश्वनाथ ना. लवंदे, खास अंक, १९९९

भांगी पांडुरंगः **उतरांचो संवसार**, गोपाळकृष्ण पाडगांवकार सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००६

भोसले सुरेशः संपा, शेट तुकाराम, कोंकण, टायम्स, वर्सुकी विशेशांक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, (स्वतंत्र गोंयच्या इतिहासातली मोडणां) १९९५.

भावे भूषण आनी हेरः **कारबारी कोंकणी,** प्रभाकर द. भिडे, राजहंस वितरण, पणजी, १९९९

मावजो दामोदरः समय दारिद्रय हीच आमची आडखळ, संपा. केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ म्हाड्डोळ, गोंय, श्री. शं. फडके, जुलय, २००५

मोराइश आंतोन द पीयदादः केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, कोंकणी समाजाच्या भौशीक वेव्हारांत कोंकणी भाशेची सुवात, एप्रील - मे अंक, २००४

म्हांबरो अनाः गोंयची वळख. संपा. केणी चद्रकांत, कुळागर, नव गोमंत प्रकाशन मडगांव गोंय, फेब्रुवारी- १९७९

-------------: **गोंयची अस्मिताय**, जाग प्रकाशन, १९७८

--------------: भायल्या भोंवडेकारांक सुचवण्यो, संपा. केणी चद्रकांत, कुळागर, नव गोमंत प्रकाशन मडगांव गोंय, अना म्हांबरो, एप्रिल- १९७९

-------------: **कोंबो गेलो तारवार**, गोवा कोंकणी अकादेमी, २००७

म्हाळशी कमलाकर दत्तारामः **ऋतुचक्र,** ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, १९९७

मुरकुंडे दीपाः **भौरंगी जीण**, श्री हरी प्रकाशन, १९९९

मणेकरा रा. दिनेशः **वेंचिल्ले खीण**, संजना पब्लिकेशन, सांगे गोंय, १९९३

रोद्रीगिश लु. आः आमचें शिक्षण संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, दिवाळी अंक, १९८६

लवंदे विश्वनाथ नाः आझाद गोमंतक मुक्ती संग्रामांतलें कार्य, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, खास अंक, १९८५

लवंदे सुधा वसंतः **ओंवळां,** संजना पब्लिकेशन, सांगें गोंय, २००६

वर्दे वालावलीकार शांतारामः **शणै गोंयबाब - खंड १,** गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस् ब्रागांझ, जून २००३

-------------------------: **शणै गोंयबाब - खंड २**, गोवा कोंकणी अकादेमी, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस् ब्रागांझ, २००३

वेरेंकार श्यामः **कोंकणी ललित निबंद**, साहित्य अकादमी, १९९७

शेणवी बोरकार गोंविंद सखारामः अश्टतासी व्यक्तीमत्व - रवींद्रबाब केळेकार, संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, १९९७

शेख. जी. एम. एः गोंयचो मुसलमान समाज - समाजीक जीण, संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी, म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

शेट रामा तुकारामः **मनमोतयां**, कोंकण टायम्स पब्लिकेशन, २००९

सरदेसाय लक्ष्मणरावः **खबरी कांय वर्मांच्यो कांय कर्मांच्यो**, सेवा समिती प्रकाशन, १९८०

सरदेसाय मनोहररायः **कोंकणी विश्वकोश- १**, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव गोंय, १९९१

सरदेसाय माधवीः शणै गोंयबाबांली कोंकणी अस्मिताय जागोवपी बरपावळ, केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, शणै गोंयबाबाली कोंकणी अस्मिताय जागोवपी बरपावळ, माधवी सरदेसाय, जून अंक, १९९८

साखरदांडे प्रजलः गोंयचो इतिहास, विशेश पुरवणी, सुनापरान्त, शुक्रार १९ डिसेंबर, २००३

सुरसुरे पंढरीनाथ केळेकार रवीन्द्र, जाग, सुमन्त केळेकार, प्रियोळ, म्हाड्डोळ गोंय, लिपी - एक सोद, पंढरीनाथ सुरसुरे, दिवाळी अंक, २०००

सुखठणकार दत्तारामः **मान्नी पुनंव**, विवेक प्रकाशन, मुंबय, १९९७.

सातोस्कर बा. दः मुंबय जिणेचेर गोंयकार शिल्पकार - शिक्षण आनी संशोधन, वावुरपी संपा. वेळूसकार रमेश भगवंत, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, १९७८

-------------: ठराव २४ वों विनायक नारायण शेणवी धुमे. कोंकण, कोंकणे आणि कोंकणी गोमंतकाची पिरतिमा संक बा.द. सातोस्कर, श्री सरस्वती प्रकाशन, पणजी – गोवा १९७३.

सातोस्कर बा. दः विशाल गोमंतक न्हय मूळ गोमंतक, संपा. भेंब्रो उदय, कोंकणी दिवाळी अंक, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय, १९७७

सोंदे नागेसः **कोंकणी भाशेचो इतिहास,** वासंती नागेश सोंदे, कोंकणी कलासागरस प्रा. लि, सांताक्रूझ, मुंबय, पयली आवृत्ती- फेब्रुवारी १९८१.

हळर्णकार तानाजीः **कोंकणी विश्वकोश खंड ४,** गोवा विश्वविघ्यालय ताळगांव, २०००

हळर्णकार तानाजीः मानवी संस्कृताय - एक नियाळ. संपा. वेरेंकार श्याम, सरदेसाय माधवी,

म्हाळशी कमलाकर, **कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय,** कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, २००३

हळर्णकार तानाजीः गोंयचे पुर्ननिर्मणेंत तरणाट्यांचो वांटो, संपा. नायक राजू , कोंकणी, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, डॉ हळर्णकार तानाजी, १९९५

हेदे गीताः संपा. शेट तुकाराम, कोंकण टायम्स, दिवाळी अंक, कोंकण टायम्स पब्लीकेशन बेती, बार्देश गोंय, खबरी कांय कर्मांच्यो कांय वर्मांच्यो - गीता हेदे १९८५

## मराठी

अनिरूद्ध अनंत कुलकर्णीः **प्रदक्षिणा**, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, पुणे, १९८०

कर्णिक मधु मंगेशः **जिवाभावाचा गोवा**, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, पहीली आवृती १२- २ – १९८६

कानोलकर बालकृष्णजीः **गोमंतकीय साहित्यातील शोधस्थळे**, गोमंतक मराठी अकादमी, पहीली आवृत्ती- मार्च २००८

कुळकर्णी अरविंद वामनः **साहित्यविचार,** प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, दुसरी आवृत्ती - १५ जुलै १९९७

केरकार राजेंद्र पांडुरंगः **गोमंतकाची सांस्कृतिक संचिते**, गोवा कला आणि संस्कृती संचालनालय, पणजी- गोवा, पहीली आवृत्ती – २००५

--------------------:माझ्या मातीचे गायन, सिध्दांत पब्लिकेशन, अस्नोडा-गोवा, पहीली आवृत्ती ३० डिसेंबर, २००७

क-हाडे सदाः **साहित्य विश्लेष**, स्वरूप प्रकाशन, औरंगाबाद, पयली आवृत्ती - जानेवारी १९९९

------------: **समाज आणि साहित्य**, प्रकाश विश्वासराव, लोकवाङमय गृह, मुंबई, दुसरी

आवृत्ती - एप्रिल १९९९

खेडेकर विनायक विष्णू: **लोकसरीता**, गोमन्तकीय जनजीवनाचा समग्र अभ्यास, विनायक खेडेकर, सदस्य सचिव, कला अकादमी गोवा, १९९३

गडकरी माधवः **असा हा गोमंतक**, कोहिनूर प्रकाशन, पणजी, गोवा, १९७५

गजेंद्रड व्ही. एनः **समकालीन भारतीय समाजशास्त्र**, फडके प्रकाशन कोल्हापूर, २०००

चंदावर उज्ज्वलाः गोंय आणि गोंयकार, तरुण भारत, अक्षरयात्रा, दीपावली विशेषक, रविवार २६ऑक्टोबर २००८

चौसाळकर अशोकः **धर्म, समाज, आणि राजकारण**, प्रकाश विश्वासराव, मुंबई, २००४

जोशी महादेवशास्त्रीः **भारतीय संस्कृतिकोश खंड ३,** माननीय श्री का. र. दामले, नायब राज्यपाल, गोवा, दमण व दीव पणजी, गोवा, १८८७

-----------------: **भारतीय संस्कृतिकोश खंड २**, हस्ते केंद्रीय उपशित्रण मंत्री श्री भक्तदर्शन नवी दिल्ली , १९६४

देशपांडे अच्युत नारायणः **आधुनिक मराठी वाङमयाचा इतिहास**, भाग दुसरा, व्हीनस प्रकाशन पुणे, १९७९

देशमुख अरुणः **साहित्याचे मर्मबंध,** विजय प्रकाशन, नागपूर, प्रथम संस्करण २०००

धोंगडे रमेशः **शैली वैज्ञानिक समीक्षा**, दिलीपराज प्रकाशन प्रा. लि. शिनीवार पेठ पुणे, दुसरें संस्करण - १९९८

धोंडगे दिलीपः **शैलीमीमांसा**, शब्दालय प्रकाशन, श्रीरामपूर, जुलै २००१

नाडगोंडे गुरूनाथः **सामाजिक संशोधन पध्दती**, फडके प्रकाशन कोल्हापूर, १९८६

नेमाडे भालचंद्रः **साहित्याची भाशा**, सांकेत प्रकाशन, औरंगाबाद, पहीली आवृत्ती - १९८७

मायी सुनीलः **समाजशास्त्र**, प्रशांत पब्लिकेशन्स् जळगाव, मे २००२

पाध्ये दिगंबरः **साहित्य, समाज आणि संकृती**, प्रकाशक विश्वासराव, न्यू एज प्रिंटिंग प्रेस, भूपेश गुप्ता भवन, मुबई, जुलै १९९८

यादव आनंदः **ललित गद्याचे तात्वीक स्वरुप आणि मराठी लघुनिबंधाचा इतिहास**, सुनील अनिल मेहता, पुणे, ऑक्टोबर, १९९५

लेले वामन केशवः **ललितलेखन व शैली,** (पाश्चात्य शैलीशास्त्राची मूलभूतत्वे), साहित्य प्रसार केन्द्र, सीताबर्डी, नागपूर १२, पहीली आवृत्ती- १९८४

सरदेसाई मनोहर हिरबाः **गोमंतकाचे असे ते दिवस**, पुरोगामी प्रकाशन, करंजाळे, गोवा, १९९४

---------------------: **गोवा दमण व दीव स्वातंत्र्य लढ्याचा इतिहास, खंड १**, गोवा, दमण व दीव सरकार, क्रिडा व संस्कृतिक संचलनालय, पणजी – गोवा, १९८६

सावर्डेकर बाळकृष्णः **गोमंतक परिचय**, तुकाराम मुकुंद सावर्डेकर, मडगांव गोवा, १९३०

संगवे विलासः **समाजिक मानवशास्त्र**, पॉप्युलर प्रकाशन, मुंबई, १९६९

-------------: **समाजशास्त्र**, पोप्युलर प्रकाशन मुंबई, १९७३

सुखठणकर जगन्नाथ सः **पोर्तुगीज राजवटीतील स्वांतत्र्य लढ्याची पाने,** गोमंतक मराठी अकादमी, पणजी गोवा, पहीली आवृत्ती - एप्रिल १९९२

सातोस्कार बा. दः **गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड १**, समाजरचना व समाजजीवन, शुभदा- सारस्वत, पुणे, १९७९

-----------------: **गोमंतक प्रकृती आणि संस्कृती खंड २**, प्राचीन व मध्ययुगीन गोव्याचा इतिहास, शुभदा पब्लिकेशन, पुणे, १९८२

सोमण अंजलीः **साहित्य आणि सामाजिक**, प्रतिमा प्रकाशन, पुणे, पयली आवृती - १९८९

## हिन्दी


एल. सुनीता बाईः कोंकणी, **भारतीय साहित्य कोश, खंड १**, संपादक - सुरेश गौतम, संजय प्रकाशन दिल्ली भारत, २००८

ए. एस काजलः समाजशास्त्रीय अध्ययन का उद्देश, भाशा, पत्रिका दोन म्हन्यात येवपी, सितंबर - अक्तूबर ९८

श्रीवास्तव एम.पीः **प्रचीन भारतीय संस्कृति कला और दर्शन**, एशिया प्रकाशन इलाहाबाद

त्रिपाठी नागेश रामः **अमृतलाल नगर के उपन्यासों का समाजशास्त्रीय अध्ययन**, वैशाली प्रकाशन, बख्खीपुर गोरखपुर, वर्ष-१९९३

त्रिगुणाय गोविन्दः **शास्त्रीय समीक्षा के सिद्धान्त (द्वितीय भाग)**, एस. चन्द एण्ड कम्पनी, (प्रा) लि. रामनगर, नई दिल्ली, १९७४

आप्टे वामन शिवरामः **संस्कृत - हिन्दी कोश**, अमर पब्लिकेशन वाराणासी, संसकरण २, १९९६

कौशिक हेमराजः **मूल्य और हिन्दी उपन्यास,** निर्मल पब्लिकेशन्स, दिल्ली, २०००

कोटमे पी. वीः **श्रीलाल शुक्ल के उपन्यासों का शिल्प विधान**, चन्द्रलोक प्रकाशन कानपूर, २००४

खण्डेलवाल जयकिशनप्रसादः **हिन्दी साहित्य की प्रवृत्तियाँ**, विनोद पुस्तक मन्दिर, आगरा, नव्म संस्करण १९७४

गायकवाड सुरेशः **जैनेन्द्र के कथा साहित्य में चित्रित सामाजिक समस्यायें**, साहित्य रत्नाकार, कानपुर, प्रथम संस्करण - १९९१

गुप्ता रमणिकाः **दलित चेतना साहित्यिक एंव सामाजिक सरोकार**, समीक्षा पब्लिकेशन्स, दिल्ली, २००४

गुप्ता मंजुलाः **हिन्दी उपन्यास समाज आनी व्यक्ती का द्वंद्व**, सूर्य प्रकाशन नई दिल्ली, प्र सं १९८६

गुप्ता एस. आरः **उपन्यास का समाजशास्त्र**, सीता प्रकाशन, मोती बाजार हाथरस ( उ. प्र), १९९५

गुप्ता गंगा प्रसादः **हिन्दी साहित्य में निबंध और निबंधकार,** रचना प्रकाशन, इलाहाबाद, प्रथम संस्करण १९७१

गुप्त गमपतिचन्द्रः **साहित्य- विज्ञान (साहित्य का वैज्ञानिक विवेचन),** लोकभारती प्रकाशन १९९२

गोयल राधिकाः **समाजशास्त्र के सिध्दांत**, बुक एनक्लेव, जैन भवन, जयपुर, २००७

गोरे बलभीमराजः **हिन्दी भाषा, लिपि व साहित्य,** विकास प्रकाशन, कानपुर, १९९७

चव्हाण गजाननः **साहित्य और समाजशास्त्र,** मधुमती पत्रिका मार्च २०००

चौधरी जगन्नाथः **निबन्धकार विद्या निवास मिश्र**, अतुल प्रकाशन- कानपुर, प्रथम संस्करण- १९९१

च्यारी रुपाः मृदुला गर्ग का कथा साहित्यः आधुनिकता बोध के संदर्भ में, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, २००३

झाल्टे दंगलः **उपन्यास समीक्षा के नए प्रतीमान**, वाणी प्रकाशन, नई दिल्ली, प्रथम संस्करण १९८७

ठाकुर देवेशः **साहित्य की सामाजिक भूमिका,** संकल्प प्रकाशन मेरठ, १९८६

तिवारी भगवानः **बिम्बवाद, बिम्ब और आधुनिक हिन्दी - कविता,** अरविन्द प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण, १९९२

तिवारी गोरख नाथः **अन्तिम दशक के हिन्दी उपन्यासों का समाजशास्त्रीय अध्ययन,**

अन्नपूर्णा प्रकाशन, कानपूर, प्रथम संस्करण, २००८

तोमर देवेन्द्र पाल सिंहः **समाजशास्त्र के मूल सिध्दान्त,** प्रकाशन डिस्कवरी पब्लिशिंग हाउस, नई दिल्ली, २००६

देशमुख दिलीपः **विद्या निवास मिश्र का निबन्धालोक,** विद्या प्रकाशन- कानपुर, २००६

द्विवेदी हरिहरनाथः **निबंध : सिध्दांत और प्रयोग,** बिहार हिन्दी ग्रंथ अकादेमी, सम्मेलन भवन, पटना, १९७१

देवरे शिवाजीः **निबंधकार आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी,** शैलजा प्रकाशन-कानपुर, २००३

नगेन्द्रः **समस्या और समाधान**, नेशनल पब्लिशिंग हाउस- दरियागंज दिल्ली, १९७१

------: **साहित्य का समाजशास्त्र,** नेशनल पब्लिशिंग हाऊस दरियागंज नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण - १९८२

पटेल राजेश भाई अः **निराला के उपन्यासों में सामाजिक चेतना**, ज्ञान प्रकाशन, कानपुर, प्रथम संस्करण,२००६

पाण्डे मैनेजरः **साहित्य के समाजशास्त्र की भूमिका,** हरियाणा साहित्य अकादमी चण्डीगढ़, १९८९

प्रेमशंकरः **भक्तिकाव्य का समाजदर्शन,** वाणी प्रकाशन, नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण- २०००

प्रेमसिंह श्रीमतीः **आधुनिक निबंध साहित्य में मनोवैज्ञानिक उद्‌भावनाएं,** ट्रॉस एशिया पब्लिकेशन, नई - दिल्ली, प्रथम संस्करण

पाण्डेय किरणः कृष्णा सोबती के कथा साहित्य में आधुनिकता बोध और नारी, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, ताळगांव, २००२

पाण्डेय माधुरीः **निराला के साहित्य में समसामायिक बोध**, संजय बुक सेन्टर, गोलघर वाराणसी, प्रथम संस्करण- १९९८

पालीवाला अपर्णाः **विष्णु प्रभाकर का निबन्ध साहित्य**, मंथन पब्लिकेशन्स, दिल्ली, प्रथम संस्करण- १९९३

फुल्ल सुशीलकुमारः **साहित्यिक निबंध,** भावना प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण- २००३

मिश्र शिवकुमारः **दर्शन, साहित्य और समाज,** अरुणोदय प्रकाशन दिल्ली, १९९२

माहेश्वरी शैलजाः मराठी, **भारतीय साहित्य कोश, खंड २,** संपादक - सुरेश गौतम, संजय प्रकाशन दिल्ली भातर, २००८

मिश्र सूर्यप्रकाशः **रिति और शैली,** अनामिका प्रकाशन, इलाहाबाद, प्रथम संस्करण - १९८८

मिश्र दुर्गा शंकरः **आचार्य रामचंद्र शुक्ल और उनकी कृतियाँ,** हिन्दी साहित्य भंडार लखनऊ, १९८३

मिथिलेश्वरः **साहित्य की सामाजिकता,** शिल्पायन प्रकाशन, दिल्ली, २००५

भट्ट वी. वेंकटरमणः विद्यानिवास मिश्र के निबंध साहित्य का सांस्कृतिक अनुशीलन, unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय ताळगांव, १९९९

भारद्वाज बिदुषीः **हिन्दी का ललित निबंध साहित्य और आचार्य हजारी प्रसाद द्विवेदी**, राधा पब्लिकेशन्स, नई - दिल्ली, १९९२

यादव सुनीता देवीः फणीश्वरनाथ रेणु के कथा साहित्य का समाजशास्त्रीय अध्ययन unpublished Ph.D thesis, गोवा विश्वविद्यालय, हिन्दी विभाग, १९९६

राय सरिताः **कबीर तुलसी की समाजीक दृष्टि का तुलनात्मक अध्ययन,** वाणी प्रकाशन नयी दिल्ली, १९९३

राकेश मोहनः **साहित्य और संस्कृति,** राधाकृष्ण प्रकाशन, नयी दिल्ली, १९९०

लाल कश्मीरीः **साहित्य का समाजशस्त्रीय अध्ययन कथा** - संदर्भ, भावना प्रकाशन दिल्ली , १९९३

वर्मा शामलाल कान्तः **अभिनव निबंधावली,** चौखंभा विद्याभुवन, वाराणसी, १९६४

वर्मा. ओ. पीः **समाजशास्त्र की मूल अवधारणाएँ,** विकास प्रकाशन, कानपुर, २००४

वर्मा धीरेन्द्रः **हिन्दी साहित्य कोश, भाग १,** ज्ञानमण्डल लिमिटेड, वाराणसी, तृतीय संस्करण १९८५

वात्स्यायन सच्चिदानन्दः **सामाजिक यथार्थ और कथा - भाषा,** नेशनल पब्लिशिंग हाउस, नयी दिल्ली, १९८६

वर्मा रामचन्द्रः **प्रामाणिक हिन्दी कोश,** लोकभारती प्रकाशन, १९९७

शर्मा ज्ञान चन्दः **हिन्दी कहानी में वर्णित सामाजिक यथार्थ,** राधा पब्लिकेशन नई दिल्ली, प्रथम संस्करण १९९६

शास्त्री मंगलदेवः **भारतीय संस्कृति का विकास वैदिक धारा**, भारतीय ज्ञानपीठ, २००३

शुक्ल उमाः **साहित्यिक शोधः प्रविधि एंव व्याप्ति**, अरविंद प्रकाशन, बम्बई, प्रथम संस्करण १९९०

शाह मु. बः **हिन्दी निबंन्धों का शैलीगत अध्ययन**, पुस्तक संस्थान, नेहरू नगर, कानपुर- १२ द्वारा प्रकाशित, १९७३

शाह अशोक केः **पाश्चात्य काव्य शास्त्र**, जवाहर पुस्तकालय मथुरा- उत्तर प्रदेश, प्रथम संस्करण- १९९९

शर्मा उषाः **स्वातंत्र्योत्तर हिन्दी निबंध साहित्य में व्यंग,** आत्माराम एण्ड संस, दिल्ली, प्रथम संस्करण १९८५

सक्सेना द्वारिकाप्रसादः **साहित्यिक निबंध**, मीनाक्षी प्रकाशन, मेरठ, नयी दिल्ली

सिंह गोपेश्वरः **भक्ति आंदोलन के सामाजिक आधार**, भारतीय प्रकाशन संस्थान नयी दिल्ली, प्रथम संस्करण - २००२

सिंह बच्चनः **आधुनिक हिन्दी आलोचना के बीज शब्द,** राधाकृष्ण प्रकाशन, दरियागंज, नई दिल्ली, १९८३

सु.म. तडकोडकर, डॉ रवीन्द्रनाथ मिश्र, कोंकणी समकालीनः **भारतीय साहित्य कोश, खंड १**, संपादक - सुरेश गौतम, संजय प्रकाशन दिल्ली भारत, २००८

डॉ. सक्सेना लालता प्रसादः **'ललित' निबंधकार आचार्य रामचन्द्र शुक्ल**, निर्मल प्रकाशन, जयपुर, १९७३

सिंह सुरेन्द्रः **समकालीन आलोचनात्मक निबंध,** अभिव्यक्ति प्रकाशन, दिल्ली, प्रथम संस्करण १९९६

सिंह त्रिभुवनः साहित्यिक निबंध, वाराणसी हिन्दी प्रचारक मंडल, १९७३

सिंह बच्चनः **साहित्य का समाजशास्त्र,** लोकभारती प्रकाशन महात्मा गांधी मार्ग इलाहबाद , (२) सं १९९८

## इंग्लीश

Aurora Couto Maria: **Goa the Daughter's Story,** Penguin Viking India, 2004

books.google.com, Alexandar Victoria D, sociology of arts, Blackwell publishing, oxford, 2003

Datta Amaresh: **Encylopaedia of Indian Literature**, Prof - Indranath Choudhuri, Secretary, Sahitya Akademi, New Delhi,

1995, volume 2

Esteves Sarto: **GOA AND ITS FUTURE,** Manaktala and sons Private Ltd, Bombay, 1966

Gomes Olivinho J.F: **Goa**, National Book Trust, India, New Delhi, 2004

http://www.thefreedictionary.com/civilization)

http://en.wekipedia.org/wiki/civilization)

http//en.wikipedia.org/wiki/The_culture

http://en.wikipedia.org/wiki/culture)

Hudson Henry William: **An Introduction to the Study of Literature**, Kalyani Publisher, New Delhi, 1995

Ritzer George: **Sociological Theory 3rd edition,** McGraw Hill University of Maryland, 1992

Smith Ronald W, Preston Frederick W: **Sociology an Introduction**, St Martin Press New York, 1977

Sardesai Madhavi: A Comparative Linguistic and Cultural Study of Lexical Influences on Konkani, unpublished Ph.D Thesis, Goa University, Department of English, 2006

Scholes, Comley R. Nancy, Klaus H. Carl, Silverman Michael: **Elements of Literature**, Sun Lithographing company Calcutta, 1999